बावकें



नं. ध. बोरकार

नंदा धर्मा बोरकार



निवृत्त शिक्षक, कॉन्वेंट हायस्कुलांत ३३ वर्सां
हिंदी, मराठी आनी कोंकणीचें अध्यापन.

शिक्षण: एम.ए., हिंदी पंडित, एस्.एच्.एस्.एस्.

एका हायस्कुलाचो २५ वर्सां वेवस्थापक,
एके शिक्षणीक संस्थेचो २५ वर्सां सरचिटणीस,
एके सहकारी सोसायटीचो १० वर्सां अध्यक्ष.

हिंदी भाशेचो प्रचारक आनी प्रसारक.
आवयभाशेंतल्यान शिक्षण मेळचें म्हूण यत्न.
प्रौढ शिक्षणा खातीर तशेंच विडी-तंबाखू विरोधी
वावरांत योगदान.

कोंकणी आनी मराठी कितल्याश्याच
नाटकांतल्यान अभिनय.

नवप्रभा दिसाळ्यांतल्यान तशेंच 'बिम्ब'
मासिकांतल्यान सातत्यान लेखन.

'पोको' हे कादंबरीक
मणिपालच्या डॉ. टी. एम. ए. पै फावंडेशनाचो
२००६ वर्साचो
उत्कृश्ट साहित्याचो पुरस्कार.

बावकें

नं. ध. बोरकार



बिम्ब
प्रकाशन

बावकें

(कादंबरी)

नं. ध. बोरकार

Bavkem

(Konkani Novel)

by

N. D. Borkar

प्रकाशन क्र. ९६

पयली आवृती

७ ऑक्टोबर २०१३

छापणावळ

इम्प्रेशन्स - बेळगांव.

अक्षर जुळणी

बिम्ब प्रकाशन

दर्शनी चित्र

गिरिश नंदा बोरकार

प्रकाशक

बिम्ब प्रकाशन

'धर्म-लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,

आगशी - गोंय ४०३ २०४

दूरध्वनी : (०८३२) २४३८३५५/२२१९२४९



मोल : ₹ १११/-

फुटबॉल खेळांत
आंतरराष्ट्रीय मळार
नामना जोडपी
प्रकाश गोविंद नायक
हाचे स्मृतीक...!

मनोगत

'बावकें' ही म्हजी नवलिका, तीन-चार वर्सां पयलीं 'बिम्ब' म्हयनाळ्यांत खिस्ती खिस्तीनी उजवाडाक आयिल्ली. आतां ती पुस्तक रुपान उजवाडाक येता ती पळोवन खूब बरें दिसता.

हाचे पयलीं 'बिम्ब' प्रकाशनान म्हजीं स पुस्तकां उजवाडाक हाडल्यांत. हें सातवें पुस्तक उजवाडाक येता. तातूंत पोको, समर्पण, गोंदू ह्यो कादंबऱ्यो, वावराडी, मम्मी हीं दोन नाटकां आनी कुळागरांतलो सर्गानंद हो निबंदां झेलो हांचो तातूंत आसपाव आसा.

'बावकें' हें म्हजें सातवें पुस्तक आनी चवथी कादंबरी.

कोण कितेंय म्हणूं पूण साहित्यीक हो सोंपेपणान जल्माक येना. बरोवपाची आवड, ध्यास, इत्सा आनी कश्ट सोंसपाची तयारी आशिल्ल्या लेखकां कडल्यानच साहित्य निर्मणी घडटा.

आनी एक म्हत्त्वाची गजाल म्हळ्यार लिखणी फुडें चलयतलो जाल्यार, लेखकाक ज्येष्ठ साहित्यीकांच्या प्रोत्साहनाची आनी मान्यतायेची चड गरज आसता. आतां हे ज्येशठ साहित्यीक खूब दर्जेदार पुस्तकां बरयल्ले आसले म्हळ्यार जायना, तर ताणीं आपल्या काळजाचीं जनेलां उक्तीं करचीं पडटात. सहृदयी ज्येशठ साहित्यीकूच नवोदितांक प्रोत्साहन दिवन नवे साहित्यीक घडोवंक शकतात. ते बाबतींत हांव भाग्यशाली आसां, अशें म्हणचें पडटा-

हांव हें हे खातीर म्हणटां की डॉ. मनोहरराय सरदेसाय, ज्ञानपीठ विजेते रवीन्द्रबाब केळेकार आनी भौ. दामोदरबाब मावजो, ह्या ज्येशठ साहित्यीकांनी म्हज्यो कादंबऱ्यो आस्थेन वाचल्यो, तांकां प्रस्तावना बरयल्यो आनी म्हजी भरपूर तोखणाय केली.

ते भायर गोंयच्या आनी गोंयां भायल्या साहित्यीकांनी, म्हजें साहित्य वाचून म्हाका लेखक जावपाक फावो तें प्रोत्साहन दिलें. तातूंत डॉ. नंदकुमार कामत, डॉ. किरण बुडकुले, ज्येशठ साहित्यीक पुंडलीकबाब नायक, ज्येशठ आनी श्रेशठ मराठी साहित्यीक माधवीताई देसाई, गोंयच्यो आदल्यो मुखेलमंत्री आनी साहित्यप्रेमी शशिकलाताई काकोडकार हांचोय आसपाव आसा.

म्हज्या साहित्याची मुजरत दखल घेवपी गोंयां भायल्या दोन व्यक्तिंचो म्हाका हांगा उल्लेख करचोसो दिसता. ते म्हळ्यार साहित्यीक विठ्ठलराय भट आनी साहित्यप्रेमी, बेळगांवचे मंगेश सरदेशपांडे. ह्या सज्जनांनी आपल्या लिखाणांतल्यान म्हज्या साहित्याची आस्थेन दखल घेतली आनी म्हाका बरोवपाक प्रोत्साहन दिलें.

विठ्ठलराय भट हाणीं तर म्हाका कांय सुचोवण्यो केल्यो. तांच्यो त्यो सुचोवण्यो म्हाका निश्चीत मार्गदर्शक थारल्यात. हें सगळें बरोवपाचें कारण म्हळ्यार, वयर उल्लेखीत आनी अनुल्लेखीत साहित्यीकांनी जर म्हज्या साहित्याची आस्थेन दखल घेंवनाशिल्ली, म्हाका प्रोत्साहीत

करूंनाशिल्लो तर हांव म्हजी ही चवथी कादंबरी घडये बरोवंक शकचों नाशिल्लों.

'बिम्ब' परिवारानूय म्हज्या साहित्याविशीं आस्था दाखोवन म्हाका उर्बा दिली. फाटलीं धा वर्सां हांव 'बिम्बा'चेर कितें ना कितें बरयत रावलों. बिम्बान तें अनमननासतना उजवाडाक हाडलें, ते पासत हांव परिवाराचो उपकारी आसां.

लेखकाक आपल्या साहित्यांतल्यान समाजाक कितेंय तरी सांगनशें दिसता. कांय लेखक समाजाचें मनोरंजन करपा खातीर बरयतात. पूण हांव जें कितें बरयतां, ताचो मुखेल हेत मनोरंजन करपाचो नासता. आयज लोकांची मनरिजवण करपा खातीर नवीं-नवीं साधनां आसात. पूण हांव जें कितें बरयतां, तें समाजाक जाग हाडपा खातीर बरयतां. तें वांकडें तिकडें जावं मागीर. पूण जें कितें बरयतां, ताची समाजाक आनी राष्ट्राक गरज आसाशी दिसता म्हूण बरयतां. मनांत आयिल्ले विचार व्यक्त जालेनांत जाल्यार अस्वस्थ जातां म्हणून बरयतां!

'बावकें' ही नवलिका मुजरत बरोवपाचें कारण म्हळ्यार, हांव एका कॉन्वेंट इस्कोलांत शिकयतालों. आतां निवृत्त जालां. कॉन्वेंट म्हळें म्हणटकच थंय महिलांचें राज्य. ल्हान-व्हड विद्यार्थिनीं चलयो, तांकां शिकोवपी मास्तरिणीय बायलो, आश्रमांतल्यो जोगिणीय जांकां लोक सिस्टरी-माद्री म्हूण वळखतात त्योय बायलो.

ह्या विंगड-विंगड दर्जाच्या, आनी ह्या ना त्या नात्यान तांचेकडे संबंद आयिल्ल्या हेर अस्तुरी वर्गाचो बारकायेन नियाळ केल्या उपरांत, म्हाका कळ्ळून आयलें की ह्या अस्तुऱ्यांचो दर्जो वेगवेगळो आसलो तरी तांचें दुख्ख मात एक सारकें आसा. हें दुख्ख तांचेर कोणें लादलेलें ना. तें तांणीं स्वताच निर्मिलां, स्वताच वाडयलां आनी स्वताच बुचकळ्यांत पडल्यांत.

दादले मनीस तांच्या ह्या दुख्खाक थोडे प्रमाणांत कारणीभूत

थारल्यात, ही गजाल जरी खरी आसली तरी ताळी केन्नाच एका हातान वाजना - केन्ना केन्नाय दादल्यांच्या कारस्थानाक बायलो बळी पडटात, तर जायते फावट - जांकां आमी अबला म्हणटात त्यो बायलो पुरूशजातीकूय सुखान न्हीद घेवंक दिनांत.

हांवें जेन्ना हो दादले-बायलांचो संघर्श अणभवलो, तांचीं दुख्खां आनी मुर्खपणांय अणभवलीं तेन्ना म्हाका दिसलें हांवें हें सगळें बरोवन कित्याक काडचें न्हय?

हांवें तें बरोवन काडलें आनी अशे तरेन म्हजे चवथे नवलिकेचो जल्म जालो.

हे आदीं हांवें म्हज्या तीन कादंबऱ्यांनीं, म्हजे ताकती प्रमाण समाजाक जागोवपाचो प्रयत्न केला. ताका फावो तें यशय मेळ्ळां. ताका लागून ही चवथी कादंबरी बरोवन काडली.

आदल्या स पुस्तकां प्रमाण, म्हजें हें सातवें पुस्तकूय वाचप्यांक आवडटलें, हाची म्हाका पुराय खात्री आसा.

म्हजी ही कादंबरी उजवाडाक हाडूंक 'बिम्ब' प्रकाशनान आस्थेन काम केलें. हांव तांचो उपकारी आसां.

तेच परी म्हजे हे कादंबरीक समर्पक मुखपृश्ठ काडून दिलें, ते खातीर चित्रकार गिरीश बोरकार हांचोय हांव उपकारी आसां.

- नं. ध. बोरकार

मास्कारेन्यस वाडो,
व्हडलें गोंय.
फोन : ०८३२-२२१८१४७

:१:

गजेंद्र नायक हो मडगांवांतलो व्हडलो गिरेस्त. ताचे गिरेस्तकायेक लागऽसारके मडगांवांत थोडेच धनवंत आशिल्ले. गजेंद्राकडे एकठांय जाल्ली गिरेस्तकाय ताच्या स्वकश्टांची नासली. पुर्वजांचे गिरेस्तकायेचेर गजेंद्राच्या बापायन कळस चडयल्लो. ते भायर आवय वटयां कितलींशींच भाटां-बेसां मेळिल्लीं ताका. सगळ्या वटयां गजेंद्राक गिरेस्तकायेची उब खूब आशिल्ली. ताका लागून धंदो-बिंदो वाडोवन, गिरेस्तकाय वाडोवपाची गरजच नाशिल्ली ताका. पुर्वजांनी जोडून दवरिल्ल्या धनाचो उपेग समाजा खातीर करचो, उरिल्ले चार दीस समाजसेवेंत घालोवचे आनी वाडवडलांचें नांव करून दवरचें अशें दिसतालें गजेंद्राक. पयशां नाड्यार तो तेंच करूंक शकतालो.

गजेंद्राकडेन गिरेस्तकाय खूब आशिल्ली. पूण ताका ती सूख दिवंक शकनाशिल्ली. कारण गजेंद्राच्या सांगाताक काशीबाय आशिल्ली आनी काशीबाय म्हळ्यार अज्ञानाचो हांडो. आवयच्या अज्ञाना वांगडा झुजतां झुजतां गजेंद्राचें आयुश्य फुकट वतालें.

काशीबायचो आवय-बापूय निपुत्रीक. तीं मेल्या उपरांत सगळें काशीबायच्याच वांट्याक आयलें. फक्त भाटां-बेसांची गिरेस्तकायूच न्हय, वंशपरंपरेन सांबाळून दवरिल्लीं पिशेपणां आनी अंधश्रध्दाय वांगडा

घेवन आयिल्ली काशीबाय. ताका लागून आपूण जें कितें करतां, जें कितें उलयतां तें वांकडें आसत, अशें केन्नाच दिसलेंना तिका.

धूव दिवची गिरेस्तागेर आनी सून हाडची गरिबाली, अशी एक म्हणणी घोळटाली आदले तेंपार. तिचें खरेलेंपण कांय लोकांचे बाबतींत आजूय पटून येता. खरें म्हळ्यार गजेंद्राचो बापूय गिरेस्तकायेन काशीबाय परस इल्लोय उणो नाशिल्लो. तरी काशीबायक आपलो घोव गिरेस्तकायेन आनी गिन्यानानूय आपल्याहून उणोच आसा अशें दिसतालें. ताका लागून उट्ठां-बसतां दोगांचींय झगडीं पेट्टालीं. ह्या झगड्यांत जैत जातालें तें फक्त काशीबायचें.

करतां करतां गजेंद्राच्या बापायक जगलां तितलें आयुश्य पुरो अशें दिसूंक लागलें. ताका जिविताचो कंटाळो आयलो. मनांत हाडल्यार तो काशीबायच्या तोंडांतल्यान आपली सुटका करून घेवंक शकतालो. पूण तें ताणें खूब आदीं करूंक फाव आसलें.

मरता आसतना ताणें आपल्या पुताक सांगलें, ``बाबा गजेंद्रा, हांवें भोगलां तें तुज्या वांट्याक येवचें न्हय म्हण सांगतां तुका. गिरेस्ताले चलयेकडे मात लग्न जावं नाका. गरिबांतली गरीब जाल्यार चलता, सुशील चली पळोवनूच लग्न कर. गिरेस्तकायेंत आनी रूपरंगांत सूख मेळटाच अशें ना मनशाक. हांवें जें केलें ना तें तुका शक्य आसा. आतां काळ बदल्ला.''

गजेंद्राच्या बापायच्या मतान काळ बदल्ला ही गजाल खरी आसली. वीस-बावीस वर्सां आदलो काळ आतां नासलो. पूण काळ बदल्लो तरी गजेंद्राक ताचो लाब नासलो. हां, बापाय एवजी आवय हो संवसार सोडून गेल्ली जाल्यारूच गजेंद्र नव्या काळाचो थोडो भोव उपेग करूंक शकतालो.

बापूय जितो आसा म्हणसर गजेंद्र लग्नाचो जाला, ही गजाल कोणाच्या लक्षांत गेली ना. तरी काशीबायचो दोळो आपल्या मावसभावाचे चलयेचेर आशिल्लो. चलयेचें नाक मात्शें जाडें आशिल्लें.

पूण मावसभावाले गडगंज संपत्ती मुखार व्हकलेच्या नाकाचें कोंत नाशिल्लें! घोवाच्या मरणा उपरांत काशीबायक आपलें राज्य चडूच मेकळें जालें. सगळ्यांत पयलीं तिणें गजेंद्राच्या लग्नविशयाक हात घालो. तिणें कळाव केलो ना. मावसभावाक आफोवन घेतलो. लग्नाचो प्रस्ताव ताच्या फुडें मांडलो.

'कुड्डो मागता एक दोळो आनी देव दिता दोन' म्हणटात तसली गत काशीबायच्या मावसभावाची जाली. भाव-भयणीन बसून, गजेंद्राच्या लग्नाचो प्रस्ताव 'साऽ' केलो.

मावसभावाक काशीबायल्या गिरेस्तकायेचें कोंत नाशिल्लें. गजेंद्रा असलो सुशिक्षीत, सुसभावी आनी देखणो जांवय मेळटा, हे जाणविकायेनूच ताचे पांय कशेच थाऱ्यार रावले नांत. गजेंद्राची मान्यताय घेनासतना काशीबाय लग्नाचो म्हूर्त थारावन मेकळी जाली.

काशीबायन आपल्या पुताची सोयरीगत जोडली. लग्नाचो म्हूर्तय पळोवन दवरलो. आपल्या नांवलोकीकाक फावता तशें, व्हडा दबाज्यान लग्न करपाचें थारायलें. त्या पासत भांगरां-शिंगरां आनी कपडे-लत्ते तयार करून दवरपाच्या वावराक लागली. सगळी तयारी करतकच पुताक चकीत करपाची माण्णी केल्ली तिणें. पूण नशिबान तिका सांगात दिलोना. काशीबायलो गूट फुटलोच. व्हंकलकाराच्या एका सोयऱ्यान लग्नाची गजाल गजेंद्राच्या कानार घाली.

आपले आवयची करणी गजेंद्राक साप्प मानवलीना. आयज मेरेन ताणें आवयचें खूब सोंसलें. पावला कणकणी ती बापायचो अपमान करताली. आवयच्या ह्या वागण्यान गजेंद्राचें सुसंस्कृत मन दुखावतालें. आवय-बापायच्या झगड्यांत आवय, बापायचेर एक सारको अन्याय करता, अशें ताका जाणवतालें. तरी तांच्या तंटयांत पडचें न्हय म्हूण तो मोन्यानी उठून वतालो.

कोणाकय दिसतलें, गजेंद्र सुसंस्कृत मनाचो आशिल्लो जाल्यार कोणें केल्ले ताचेर सुसंस्कार? आवयल्या वागण्यावेल्यान तर ती कोणाचेर

बरे संस्कार करपाचे लायकेची आशिल्ली, अशें दिसून येनाशिल्लें.

गजेंद्राक सुसंस्कारीत केल्लो ताचे आज्जेन. आवय-बापायकडे मान-रेस्पेदान कशें वागूंक जाय हें आज्जेनच गजेंद्राक शिकयल्लें. ताकाच लागून आयज मेरेन तो आवयची सांगणी-म्हणणी आयकत आयलो. बापायच्याय उतराक मान दिवन तो तशें करतालो.

पूण आतां मात गजेंद्रान आपले आवयक हिसको दिलो. आवयलें गुपीत आपल्याक खबर आसा हाचो ताणें तिका पत्तो लागूंक दिलो ना.

:२:

गजेंद्राल्या राबित्याक तेंकून, भाड्याच्या घरांत एक शिक्षक रावतालो. हो शिक्षक शारांतल्या हायस्कुलांत शिकयतालो. त्या शिक्षकाक एक शिकिल्ली सवरिल्ली चली आशिल्ली. रंगरूपानूय वायट नाशिल्ली. गजेंद्रान तिची आनी तिच्या घराब्याची पुराय खबर काडली. चलयेचो बापूय गजेंद्रा इतलो गिरेस्त नासलो, तरी तो बऱ्या घराब्यांतलो आसलो.

गजेंद्रान आतां चिंतलें. आवयचेर पातयेवन रावल्यार फुडें आपलो सर्वनाश जातलो. तो ताळटलो जाल्यार आवयक आतांच बुद्द शिकयल्ली बरी. ताणें आनी कळाव केलो ना. आपल्या एका बरें मागत्याक घेवन शिक्षकालें बिराड गांठलें.

शिक्षकान गजेंद्राक नमळायेन येवकार दिलो. मात्तय कळाव करिनासतना गजेंद्राल्या वांगड्यान आपली आनी गजेंद्राची वळख शिक्षकाक करून दिली.

शिक्षक गजेंद्राच्या बापायक बरेभशेन वळखतालो. आपल्याकडे आयिल्लो मनीस लटरफटर न्हय, हाची जाणविकाय त्या शिक्षकाक जाली. ताणें फाटलो-फुडलो विचार करिनासतना आपले घरकान्नीक आफोवन घेतली. वांगडा धूव आनी पुतय हांसत्या मुखामळान येवन आवय-बापाय म्हऱ्यांत बसलीं.

थोडो वेळ कोणाक कितें उलोवचें कांयच समजलेंना. खिणभर

शांतताय पसरली.

‘‘गजेंद्र, हांव उलोवं काय तूं उलयता रे! आमी कित्याक आयल्यात तें तांकां स्पश्टपणान कळ्ळ्यार बरें न्हय? ताकाक येवन गाडगो कित्याक लिपोवया?’’

‘‘तूं उलयता मरे, तूंच उलय. हांव उलयलों कितें आनी तूं उलयलो कितें, कितें फरक पडपाचो आसा?’’ गजेंद्रान इश्टाक म्हळें.

‘‘फरक ना कसो तर, फरक आसा. तुज्या मनांतलें म्हजे परस तूंच बरेभशेन सांगतलो.’’ इश्टान उक्तेपणान म्हळें.

‘‘अशें म्हणटा, बरें आसा तर. हांवच उलयतां.’’ गजेंद्र धिटायेन उलयलो.

‘‘गुरूजी, हांव तुमचे धुवेक वळखतां. हांव तिका मागणी घालूंक आयलां.’’ गजेंद्र धपक्याक उलोवन मेकळो जालो. गजेंद्राच्या उलोवण्यान व्हंकलेचो आवय-बापूय अजापांत पडलो. दोगांय तोंड ‘आंऽ’ करून एकामेकाकडे पळेत रावलीं. व्हंकलेचो चेरो खिणांत गंभीर जालो. तिची नदर पावलांकडे वळ्ळी.

‘‘अशीं काचाबूल जावपाची गरज ना तुमकां. हांव तुमकां आनी तुमचे धुवेक पुरायेन वळखतां. सगळी चवकशी करून तयारेन आयलां हांव. म्हजो बापूय हालींच भायर पडलो. ना जाल्यार ताकाच वांगडा घेवन येवपाचों हांव!’’ गजेंद्र सडसडीत उलोवन मेकळो जालो.

‘‘तुमच्या बापायची खबर आसा म्हाका.’’ व्हंकले बापायन थंडसाणेन जाप दिली.

‘‘पूण तुमची आवय?’’ व्हंकलेचे आवयन प्रस्न केलो.

‘‘म्हजी आवय म्हाका म्हजे इत्से आड लग्न करूंक सोदता.’’

व्हंकलेचो बापूय आनी व्हंकलूय उच्च शिक्षीत आशिल्ली. तांकां खरेली परिस्थिती कळूंक कळाव लागलो ना. तरी तांकां गजेंद्राची म्हायती काडपाक चार दिसांची मुजत जाय आसली. ताणीं ती गजेंद्राकडच्यान मागून घेतली.

:३:

गजेंद्रालो प्रस्ताव मानून घेवपाक दुर्ग्याच्या आवय-बापायन चार दिसांची मुजत मागून घेतिल्ली. तरी गजेंद्राक खात्री आशिल्ली कीं गुरूजी आपल्याकूच जांवय म्हूण पसंत करतलो. ताकाय कारण आसलें. गुरूजी कितलोय दुबावलो, कितलोय भोंवलो तरी गजेंद्राक वायट म्हणपी एक लेगीत व्यक्ती त्या शारांत आनी शारा भायर मेळपाक कठीण आसली. ताका लागून गजेंद्र गुरूजीचो जांवय त्याच दिसा पक्को जाल्लो. उरिल्ली ती फक्त 'हां' म्हणपाची फर्मालदाद!

हें खरें आसलें तरी गजेंद्राचें मन मात आयज चडूच काचाबूल जाल्लें. ताका बापायच्या उतरांची याद जाली, 'गरिबांतली गरीब जाल्यार चलता, सुशील चली पळोवन लग्न कर.' हीं तीं उतरां. हीं उतरां गजेंद्राच्या काळजांतल्या खंयच्या तरी कोनशाक कवडो करून बशिल्लीं. ताकाच लागून ताणें दुर्ग्याची निवड केल्ली आपली भावी घरकान्न म्हण! ताच्या रंग-रूपाक लागून न्हय, ती गरीब म्हणूनय न्हय तर ती एका सुविद्य शिक्षकाची धूव म्हूण! तिची नमळताय, शालीनताय, उलोवपाची रीत आनी उतरांतली ल्हानवीकाय, ह्या सगळ्या गुणांनी पिसो करून सोडिल्लो गजेंद्राक. ह्या गुणां मुखार ताच्या वांट्याक आयिल्ली पुराय गिरेस्तकाय मातयेमोलाची दिसूंक लागली ताका. दुर्ग्याच्या रुपान घरांत सरस्वती प्रवेशची आनी मुळांत वास करून आशिल्ल्या लक्ष्मीच्या आदारान मसणरूपी आशिल्ल्या घराचें रूपांतर सर्गांत जावचें, अशें दिसतालें गजेंद्राक. पूण....!

कांय मनीस खूब चिंततात. तांच्यो येवजण्योय हिसपा भायर आसतात. त्यो येवजण्योय नेटान चालीक लागतात. पूण तांकां येश मेळटाच अशें मात नासता. हुशार, प्रामाणीक, कर्तुबी आनी नितळ मनाच्या मनशाच्या नशिबांत लेगीत खूबदां वायट वाडून दवरिल्लें आसता.

हांगा गजेंद्राविशींय तशेंच घडटा. आवयच्या पाड्या सोबावाक

लागून ताचो बापूय केन्नाच संवसार सूख भोगूंक पावलो ना. बापायक आजो-आज्जे कडसून मेळिल्ले संस्कार आवय मुखार फिके पडटाले. तरी बापाय वटयां मेळिल्ले सुसंस्कार थोडे तरी ताचे गांठीक आशिल्लेच. तांच्या आदारानच फुडें ताचो तिगाव लागऽ सारको आशिल्लो.

आयज मेरेन कजाग आवयच्या चेपणाखाला गेल्ली बापायची जीण गजेंद्रान अणभविल्ली. ह्या अणभवान तो शाणो जाल्लो. ताणें थारायलें, कोणाचीच पर्वा करिनासतना स्वताक बदलपाचो. आवयन बापायक दिल्ल्या त्रासांचो बदलो घेवपाचें ताणें थारायलें. ते बगर ताका दुसरो पर्यायूच नासलो.

गुरूजी गजेंद्राच्या बापायक बरेभशेन वळखतालो. ताचे गिरेस्तकायेची कल्पना ताका थोडी भोव आसली. पूण गुरूजी गिरेस्तकाये परस चारित्र्याक चड म्हत्व दितालो. तो हेंय जाणां आसलो की बापूय चारित्र्यवान आसलो म्हूण पुतूय तसोच आसतलो, हें कोणाच्यान सांगूं येत?

गुरूजीन गजेंद्राचे जिणेची खोलायेन चवकशी केली. गजेंद्राचे जंय जंय संबंद आसले, थंय थंय गेलो गुरूजी. निमणे मेरेन गजेंद्राक वायट म्हणपी एकय मनीस मेळ्ळोना ताका. गुरूजीचें काळीज खोशेन भरलें. मनांत कसलोच दुबाव बाळगीनासतना आपल्या काळजाचो कुडको - दुर्गाक तो गजेंद्राक भेटोवंक एका पांयार तयार जालो.

गुरूजीक दिसलें, सोयरीक पक्की करूंक चार चोवगांक घेवन घरकान्नी सयत गजेंद्रागेर वच्चें. पूण गजेंद्राल्या घरांतली परिस्थिती ताच्या लक्षांत आयली. एकट्या गजेंद्राकडे उलोवपा सारकें कांयच नासलें. उलोवप आदींच जाल्लें. आतां दोनूय पक्षांचे प्रतिनिधी जावन, सुरांत सूर मेळोवन निमणें उतर पक्कें करपाचें!

आतां गुरूजीन दिल्ली चार दिसांची मुजत सोंपिल्ली. गुरूजीचे वाटेकडे गजेंद्राचे दोळे लागून आशिल्ले. एकदां हयकाराचीं उतरां आयकून हुस्क्या विरयत जावंक सोदतालो गजेंद्र!

:४:

ते दिसा आयतार आसलो. बंगल्यावेल्या चाकरमान्यांक सुटी आसली. काशीबाय सक्काळीं फुडें आपल्या मावसभावाकडे गेल्ली. बंगल्याकुशीचें सोबीत गार्डन गजेंद्राक वावरूंक मेकळें जाल्लें. सप्तकभर भायर कामांत गुंतून आशिल्लो कर्मचारी जसो आयतारा दिसा आपल्या सानुल्यां वांगडा खेळूंक वेळ राखून दवरता, तेच परी गजेंद्र आपल्या गार्डनांतल्या फुलां खातीर एक-दोन वरां तरी राखून दवरतालोच. तेच नेमान आजय तो आपल्या अपुर्बायेच्या फुलझाडांची फाव तशी काळजी घेतल्या काय ना हाची पारखण करतालो. घरांत ओड-माया लावपा सारखीं मनशां नासतकच कांय मनीस सैममोगांत पडटात. गजेंद्रालेंय हांगा तशेंच जाल्लें.

फुलझाडांकडें मन गुतिल्लें आसतनाच गजेंद्राचें शिंतीद अचळय वाटेन येतल्या गुरूजीचेर गेलें. आपल्याक जांवय म्हण गुरूजील्या घराब्यान पसंत केलो, हें कळपाक गजेंद्राक कळाव लागलो ना. ताची मनकळी फुल्ली. तो ताकतिकेन फुडें गेलो. गुरूजीचे पांय दाराक लागतांच गजेंद्रान नमळायेन ताका येवकार दिलो. ताचे चरण स्पर्श करून हात आपल्या कपलाक लायलो. मागीर ताका आदरान व्हरून सोफार बसयलो. घरांत वावराडी आसली, तरी ताणें स्वता घरांत वचून उदका पेलो हाडून थंयच्या मेजार दवरलो. मागीर आज्ञाधारी विद्यार्थ्यां प्रमाण, गुरूजीच्या मुखामळाकडे उत्सुकतायेन पळेत उबो रावलो.

''गजेंद्रबाब, हांव येवपाचें कारण कळ्ळें आसतलें तुमकां.'' हातांतलो रिकामो पेलो मेजार दवरीत गुरूजी उलयलो.

''ताची कल्पना आयली म्हाका.'' मुखामळां वयली खोशी लिपय नासतना गजेंद्रान जाप दिली.

''आमी आमच्या अपुरबायेच्या दुर्ग्याचो हात तुमच्या हातांत सोंपोवपाचें थारायलां.''

“तुमचे धुवेक हांव सुखान दवरतलों. केदेंय व्हडलें संकश्ट आयलें तरी ताचें सांवट हांव दुर्ग्याचेर पडूंक दिवंचो ना.”

“म्हाका ताची पुराय खात्री आसा. पूण म्हजें मन तुमचे आवयकडे दोन उतरां उलोवचीं अशें सांगता.”

“ती घरांत ना गुरूजी आनी आशिल्ली जाल्यार लेगीत ती म्हज्या लग्नाविशीं तुमचेकडे कांयच उलोवंक तयार जांवची नासली. ताचें कारण हांवें तुमकां आदींच सांगलां.”

हें सांगता आसतना गजेंद्राचें मन चडूच अस्वस्थ जाल्लें आनी कित्याक जावचें ना? येद्या व्हडल्या गिरेस्त आनी सुशिक्षीत मनशाचेर - आपले आवयचेर कोंत्र उलोवपाचो प्रसंग आयिल्लो. हें सगळें ताच्या मना आड घडटालें. ताका लागून ताचीं सगळीं गात्रां आतां अथीर जाल्लीं. काळजांत धडधडो भरलो ताच्या. दोळे तांबशेले. गळो घरघरलो. आवाज कातरलो. तो रडपाक पावलो. तरी ताच्या दोळ्यांतल्यान एकूय दुका थेंबो गळ्ळोना. सगळ्या भावनांचेर नियंत्रण दवरून, गुरूजी सामकार धिरान उबो रावलो गजेंद्र!

गुरूजी अणभवी आनी प्रशिक्षीत शिक्षक आसलो. ताका ल्हाना-व्हडांचें मानसशास्त्र कळटालें. ताका गजेंद्राची अस्वस्थताय जाणवली. असल्या वेळार आपणें चड उलोवप समा जावचेंना म्हूण ताणें गजेंद्राचो निरोप घेवपाचें थारायलें.

“बाबा, आमचें उतर आतां पक्कें जालें अशें मानपाचें न्हय?”

“हय गुरूजी!” हयकार दितना तोंडावेल्यो सगळ्यो भावना गजेंद्रान खिणांत पयस केल्यो.

“तशें जाल्यार आतां हांव वतां. घरच्यांकडे उलयतां. भटागेर वचून म्हुर्त खंयचो बरो आसा तो पळेतां. मागीर घरकान्नीक घेवन येतां फुडलीं उलोवणीं करपाक.” अशें म्हूण गुरूजी वचपाक उठलो.

“थांबात गुरूजी, लग्न सुवाळो थारावपाक खासा मेळपाची व्हडलीशी गरज ना आमकां. तुमकां वेळ मेळटा ते प्रमाण रेजिस्त

शिविलांत वचून कायदेशीर रजिस्ट्रेशन करूया. उपरांत दोगांल्याय इश्टमित्रांक आमंत्रीत करून, एका देशेंत सभाघरांत स्वागत समारंभ करूया. तुमी कसलीच काळजी करूं नाकात, सगळें हांव पळेतां.'' गजेंद्र निरागसपणान सगळें उलोवन गेलो.

''तें जायत रे बाबा! पूण मानपान, रीतबात, देण्यां-घेण्यांचीं उलोवणीं वेळार जाल्यार बरीं न्हय?'' गुरूजीन आपली चिंता उलोवन दाखयली.

''गुरूजी, मानपानाचें कितें घेवन बसतात तुमी? आतां काळ बदल्ला.''

''हय रे बाबा, पूण आमच्या घरच्यांची आनी सोयऱ्यां-धायऱ्यांचीं मनां सांबाळपाक जाय न्हय? तुमच्यो अडचणी आयल्यो म्हज्या लक्षांत. उप्रासिल्ल्यो अडचणी पयस करून कितें बरें घडटा जाल्यार घडूं दी! कितें म्हणटात?''

''म्हजी कांयच हरकत ना. देण्यां-घेण्यांविशीं म्हणशात जाल्यार म्हाका तुमचे कडच्यान कांयच नाका. आतां म्हजे कडच्यान तुमची कितें अपेक्षा आसत तर उलयात.''

गुरूजी केदो वेळ गजेंद्राच्या तोंडाकडे पळेत रावलो. आपल्याच लग्नाविशीं कितेंच लिपोवन दवरिनासतना, सडसडीत उलोवपी तरणाटो गुरूजी पयलेच फावट पळेतालो. गुरूजीन भावी जांवयाच्या मनाचो थाव घेतलो. आपल्याक सरळ आनी उकत्या मनाचो जांवय गावता म्हूण ताका भोव बरें दिसलें. ईश्वर मनशाचें मन पळोवन धन दिता म्हणटात हाचेर गुरूजीचो विस्वास बसलो.

गुरूजी गजेंद्राकडे उलोवणी करून खोशयेन घरचे वाटेक लागलो. वतना ताणें हेंय थारायलें, लग्न व्हडा दबाज्यान करतलो जाल्यार न्हवरेकारांचीय भुमिका आपल्याकच वटवची पडटली!

सोयरीगत पक्की जाली खरी, गुरूजी खोशयेन गेलो खरो, पूण फाटल्यान गजेंद्राचे अस्वस्ततायेक आतां चडूच भरतें आयलें. येत्र

करूनूय ताचें मन कशेंच थाऱ्यार उरलें ना. धडधाकट तरणाटो तो. तरी ताच्या गात्रांतलें बळ खंयच्या खंय नाच जालें. तो स्वताक सावरूंक शकलो ना. ताकतीकेन सालांत गेलो. थंयच्या गुबगुबीत सोफाचेर ताणें घालून घेतलें.

घडूंक जाय तें घडना अशें जेन्ना मनशाक दिसता, तेन्ना तो गोंदळटा. ताची विचारशक्त मंदवता. वक्तार आपूण एकटो पडिल्ल्याचो भास ताका जाता. ताका कोणाच्याय तरी आदाराची गरज भासूंक लागता.

तशें पळोवंक गेल्यार गजेंद्र एकटो नासलोच. आतीं, आतेभाव-भयणां, बापोलभाव-भयणां, मामा, मामेभाव, इश्ट-मित्र घेऽ म्हूण आसले ताका. उलो मारपाचीच फुरसत. वायट-बऱ्याक फाटलो-फुडलो विचार करिनासतना धांवून ये सारके आसले. पूण आतां ताणें मुजरत सगळ्यांक पयस दवरले. कारण ताका खबर आसली, आपल्याहून चड पेजाद आसा ती आपली आवय-काशीबाय! दुडवांनी आनी अधिकारांनी तिचें दालें जड आसाच, ते भायर ती उतरांनीय खर आसा. ताका लागून सट्ट करून कोणूय तिचे वाटेक वचूंक भियेतात. आतां ती पुताचेर रागार आसा म्हणटकूच तिका सोडून गजेंद्राक लागीं जावप म्हळ्यार व्हड संकश्ट ओडून घेतल्या सारकें जावप. गजेंद्राकूय आपले आवय आड सोयऱ्या धायऱ्यांची फौज उबी करप नाका आसलें. ताका लागून ताणें आयिल्ल्या प्रसंगाक आपणेंच तोंड दिवपाचें थारायलें. मात ताणें फक्त आपलो इश्ट-मंगेशाचो आदार घेवपाचें थारायलें.

ह्याच मंगेशाक घेवन तो सुर्वेक गुरूजीच्या दारांत गेल्लो, ताचे धुवेक मागणी घालूंक.

कांय मनीस आपले जिणेंत थीर आसतात. उतरांचे पक्के आसतात आनी असलेच मनीस जल्मभर जबाबदारेन वागतात. कोणाकूय दिल्लें उतर मोडचें म्हणल्यार तांच्या जिवार येता.

गजेंद्रालेंय तशेंच आसलें. गुरूजीक ताणें ताचे धुवेकडे लग्न जावपाचें उतर दिलें, तेन्नाच तो आपलें लग्न जालें अशें समजूंक लागलो.

कारण लग्न मोडपा सारकी कसलीच अडचण तांच्यांत नासली. गुरूजीचो घराबोय सुशिक्षीत आनी समजीकायेचो. तेन्ना एकामेकांचेर पक्को विस्वास. ह्या विस्वासानूच आतां गजेंद्र-दुर्गाचीं मनां एक जाल्लीं. जल्मभर एकठांय रावपा खातीर!

गजेंद्राक आतां आपूण लग्न बंदनांत पडलों हाची पुराय खात्री जाल्ली. ताकाच लागून तो जबाबदार तरणाटो अस्वस्थ जाल्लो. आतां देव-धर्माच्या कायद्यान, भट-बामणाचे साक्षीन घरलक्ष्मी दारांत येतली. तिचें स्वागत करपाक, तिका येवकार दिवपाक, आपलोसो मायेचो-हक्काचो कोणूय आसूंक जाय, ही जाणविकाय गजेंद्राक अस्वस्थ जावपाक कारणीभूत जाल्ली. बापूय आशिल्लो जाल्यार, ताच्या आशिर्वादान सगळें ठिकठाक जावपाचें. आवयकडल्यान कसल्याच बरेपणाची तो अपेक्षा करूंक शकनासलो. तिच्या मावसभावाचे चलयेकडे तो लग्न जाल्लो तर मात ती आपल्याकडे आशिल्लें-नाशिल्लें सगळें पुताचेर ओवाळून उडोवपाक तयार आसतली आसली! तिच्या मनांत आयिल्ली गजाल पुर्णतायेक व्हेल्याबगर तिका सुशेग लागनासलो. ती एकदां हट्टाक पेट्टकच आपल्या-पेल्यांक सगळ्यांक विसरताली.

गजेंद्राक हेच गजालीचें आतां चड पिकासांव जाल्लें.

साधु-संत आवयांचें व्हडपण गायत आयिल्ले आसात. पूण सगळ्योच आवयो ह्या व्हडपणाक पात्र आसतात अशें मात काशीबायचे देखीवेल्यान म्हणप समा जावचेंना. कांय आवयांक आपलो सुवार्थ आनी हट्ट आपल्या भुरग्यां परस चड म्हत्वाचो दिसता. काशीबाय तांतली एक आसली.

आवय-बापूय आपल्या भुरग्यांचें हीत लक्षांत घेवन तांकां सुदारपाचो येत्न करतात. तांचें तें कर्तव्य आनी हक्कय आसता. पूण पिशे आनी अशिक्षीत आवय-बापूय जेन्ना शाण्या भुरग्यांचेर आपलीं पिशेपणां लादूंक सोदतात, तेन्ना भुरगीं आवय-बापाय पसून पयस वचूंक लागतात. हांगांय गजेंद्र आपले हट्टी आनी 'ग'ची पिडा बादिल्ले आवय

पसून जाता तितलो पयस रावंक सोदतालो. तातूंत तो चुकता अशें कशें म्हणू येत?

गजेंद्र आपले आवयक सुदारपाचे भानगडीक केन्नाच पडलो ना. गरज आसुनूय बी. आनी तसो येत्न केल्लोय जाल्यार उमथ्या कळशार उदक जातलें हाची पुराय कल्पना आसली ताका.

गजेंद्राक दिसतालें, कसलेच बाबतींत आपणे आवयक दुखोवची न्हय. ती चुकली तरी ती आवय म्हण तिचे पांय धरचे. तिचें मन वळोवचें आनी कोणायभशेन तिचे आशीर्वाद घेवचे. पूण हें जेन्ना शक्य ना अशें ताका दिसलें, तेन्ना ती ताचे नदरेंतल्यान कायमची उतरली.

:५:

कांय बायलांचें जशें वय वाडटा, तश्यो तांच्यो उचापतीय वाडटात. अशिक्षीत बायलांक तर असली पिडा चडूच बादता. तांचोय एक खाशेलो असो काळ आसता आपल्या घोवाचेर अधिकार गाजोवपाचो, भुरग्यांक रीत शिकोवपाचो. त्यो बायलो मागीर शाण्यो आसूं ना तर अरवळ, त्यो आपल्याक जाय तेंच करूंक सोदतात. तांच्या मनांत आयिल्ले विचार चुकीचे अशे केन्नाच आसनात, असो तांचो समज आसता. हाचेवेल्यान त्यो दुश्ट-बिश्ट आसतात अशें समजुपाची गरज ना. खूबशो मायेस्त आनी मोगाळ आसतात. तांच्या ह्या बळाचेरूच त्यो आपलो हट्ट आनी वायट-बरे विचार घरवांगड्यांचेर लादूंक शकतात आनी सोसीक घरवांगडी हें सगळें मुक्काट्यांनी मानून घेतात. कारण तांकां दुसरो पर्यायूच आसना. ल्हान भुरग्यांक बापायन वा हेर कोणेंय दुखयल्यार तीं आवयकडे कागाळ करतात. आवयच्या आसऱ्याक धांवतात. पूण आवय जेन्ना भुरग्यांचें कांयच आयकून घेना तेन्ना भुरगीं खंय धांव घेतलीं? आनी धांवून गेलींय जाल्यार तांकां परत आवयच्या आसऱ्याक येवचेंच पडटा. सैमाचो नेमूच तसो आसता. ताका लागून आवयन कितेंय सांगलें तरी भुरग्यांक तें मानचेंच पडटा.

अशें जरी आसलें तरी चार दीस मांयचे जाल्यार चार दीस सुनेचे आसतातच. ल्हान आशिल्ल्या भुरग्यांच्या आंगांत जेन्ना बळ येता तेन्ना तांकां पाखां फुट्टात. आनी जेन्ना पाखां फुट्टात तेन्ना आवयचें बळगें तांकां आळाबंदाक हाडूंक शकना. भुरगीं आवयचे आदेश झिडकारूंक लागतात. असल्या वेळार आवयक आपली ताकत उणी जाल्ल्याची जाणविकाय जाता आनी मागीर त्यो आपल्याकडे आशिल्ल्या कसल्याय बळाचो उपेग करून हट्टाक पेट्टात.

काशीबायलेंय आतां अशेंच जालां. घोव मेल्या उपरांत तिका आतां अधिकार गाजोवपाक बळ उणें जालां. घरांतले मानाय आनी वावराड्यो तिचेर कंटाळल्यात. ताका लागून तिचो मोर्चा आतां हक्काच्या पुताकडे-गजेंद्राकडे वळ्ळा. ताचें बरें करपाचें, ताका संवसाराक लावपाचो हक्क ती आपूण कसोच सोडूंक तयार ना. आपले पसंतीप्रमाण गजेंद्राचो संवसार उबो जावचो, इतलेंच न्हय तर आपल्या सांगण्या-म्हणण्या प्रमाण आपल्या पुतान आनी भावी सुनेन वागुंकूच जाय अशें तिचें पक्कें मत.

आतां तिका वसंताकडे- मावसभावाकडे येवन दोन दीस जाल्यात. तशें तिचें ह्या आदींय वसंताकडे येवप-वचप आनी दोन-दोन दीस राबितो करप आसतालें. वसंतागेरूच कित्याक, घोवाकडे चडूच बिनसलें तर ती रागान लागसारच्या सोयऱ्यांकडे धांव मारताली. वांगडा मानायांक ना तर वावराडे कडच्यान कसली ना कसली जडशी पिशवी व्हरतालीच. असल्या पिशव्यांक लागुनूच तिका वचत थंय हुनहुनीत येवकार मेळटालो.

काशीबाय आता सदचे भशेन वसंतागेर फोल्गांक वचूंक नासली. ती गेल्ली पुताच्या लग्नाचें जाग्यार घालूंक. तिणें वसंता म्हऱ्यांत बसचें, वांगडा वसंता बायलेकूय बसोवची. देणें-घेणें, भांगरां-शिंगरां, कपडे-लत्ते बी कशे आसचे ह्या सगळ्यांविशीं फक्त काशीबायनूच उलोवचें. वसंताबायलेन फक्त मोन्यानी आयकुपाचें. गरज पडटा तेन्ना आनी काशीबायक जाय तेन्नाच वसंतान तोंड उक्तें करपाचें. हें सगळें थारावनूच

गेल्ली काशीबाय व्हंकलकारागेर. तिणें आपल्याक जाय तें एकमतान थारावन घेतलें. वसंतानूय तिच्यो सगळ्यो मागण्यो आनी कोंदीसांवां मानून घेतलीं. कारण ताका कशेयभशेन ताचें नाकयें चली गजेंद्राच्या गळ्यांत बांदिल्लें जाय आसलें. हें एक नाकयें खपलें म्हणटकूच हेर भुरावळीचीं लग्नां ताका सोपीं वचपाचीं आसलीं.

काशीबाय आतां खोशेन भरिल्ली. तिका जाय तश्यो सगळ्यो गजाली घडून आयिल्ल्यो.

दुसरे दिसा सकाळीं तिणें मडगांवां वचपाचें थारायलें. वसंताक टॅक्सी आरांज्यार करूंक सांगली. दुसरे दिसा सकाळीं तिणें धां च्या सुमाराक कुंभारजुवें सोडलें. काशीबायचो देवांचेर चड भावार्त. कुंभारजुवें तें मडगांव पावऽ मेरेन वाटेर खंयचीं खंयचीं देवळां लागतात तीं तिका तोंडपाठ! तिणें वांगडा एके ल्हानशे पिशवेंत तिशेक बेडे आनी तितकींच खावचीं पानां घालून सोफेराच्या म्हऱ्यांत दवरूंक लायलीं. माशेलांत पावतकूच टॅक्सी देवळाकडे वळोवंक लायली. थंयच्या फुलकारां कडल्यान तिशेक फुलां झेले विकते घेतले. आपूण गाडयेंत बसून रावली. सोफेराकडे पांच-पांच रुपयांच्यो दोन नोटी दिल्यो. थंयच्या दोन मुखेल देवांक पानां विडो, फुलां झेलो आनी पांच रुपयांची नोट धाडून दिली आनी भटाक रकाद दिलो की हें काशीबायचे वतीन देवाक दी!

सोफेरान काशीबायचे ओर्दी प्रमाण काम केलें.

"तुजें नांव कितें रे?" काशीबायन सोफेराक विचारलें.

"लाडू बाय!"

"तूं खंयचो?"

"हांव माशेलांचो बाय!"

"अशें? तशें जाल्यार हांगाच्यान मडगांवां पावऽ मेरेन वाटेर कितले देव लागतात खबर आसा तुका?"

"हय बाय. म्हाका सगलीं नांवां पाठ आसात. देवांचींच सांगों काय देवचारांचींय?" लाडून उत्सुक्तायेन प्रस्न केलो.

“म्हाका नांवां-बिवां कांय नाका. फक्त हांव सांगतां तें कर.”

काशीबायन सुट्या रुपयांची पोटली काडून लाडू सुवादीन केली.

“हें कितें बाय?” लाडून ती जडेली पोटली झेलयत अजापीत जावन प्रस्न केलो.

“हे सुटे रुपये. तातुंतलो एकेक रुपया काडून विड्यार दवरपाचो. विड्या सयत फुलां झेलो वाटेर मेळटा तितल्याय देवांक एकेक दिवपाचो. करता मरे हांवें सांगलां तशें?”

“हय तर! करूंक कितें जालां? पूण बाय, हेका खूब वोगोत लागतलो न्हू? घरा पावता म्हणल्यार दोन जातलीं? वाटेर देव थोडे ना. देवां परस देंवचारूच चड आसात. एकट्याक दिल्यार दुसरो रागार जातलो.”

“कोणाक सोडूं नाका. फुलां बी उणीं पडलीं जाल्यार माड्डोळा आनीक घेवचीं.”

“तें जायत बाय, पूण म्हाका देमोराचे पयशे दिवंचे पडटले आं!” लाडू वेव्हाराचें उलयलो.

“दिवया मरे! तूं देमोरा सयत भाडें सांग.”

ओर्राद काशीबाय नेटान उलयली. काशीबाय वेव्हारी आसली तरी कसलेच बाबतींत चिकूपणा करी नासली. कंजुसी केल्यार लोक पयस रावतात हें ती जाणासली. ताका लागून खंयच्याच देवळांत प्रसादांक वच्चें पडल्यार, आदल्या दिसा ती आपल्या मनशाकडसून पांचवी नोट प्रसाद लावपी भगताक ना तर भटाक धाडून दिताली. मागीर काशीबाय खंयच्याय वेळार देवळांत भितर सरूं, तिका पयलें प्रेफरेंस. देवूय तिका सदांच प्रसन्न. खंयच्याच देवाक कापाजदाद नासली, काशीबायच्या मना आड प्रसाद दिवपाची. काशीबायच्या फावोरार प्रसाद झडोवपाची कळा देवाकृपेन देवळांतल्या पुजाऱ्यांक बेसबरी कळटाली.

ल्हान-व्हड देवांक पान-दुडू दीत-दीत ती आतां एका नावाजत्या देवळाकडे पावली. गाडी देवळाच्या देट्ट्याभायर पयसशी उबी केली.

कारण ती टॅक्सी आसली, तिची स्वताची गाडी न्हय.

काशीबाय टॅक्सी ड्रायव्हराचो वांगोड घेवन देवळा पायऱ्यां मेरेन वचूंक सोदताली. तितक्यांत तिका खुशालीन पळेली. खुशाली उडणां मारीत तिच्या म्हऱ्यांत गेलो. माथें खरपीत, दांत भायर काडून, हांसत्या तोंडान तिका पळेत उबो रावलो. काशीबायन कळाव करिनासतना धा रुपयांची नोट खुशालीच्या हातार दवरली.

खुशाली काशीबाय कडच्यान पांच रुपयांची अपेक्षा करतालो. हालीं-हालीं प्रत्येक वेळा ताका ती पांचच रुपये दिताली. आज धा रुपये हातार पडल्यात तें पळोवन खुशालीच्या मनाची कळी खिणांत घस्स करून फुल्ली.

हो खुशाली म्हळ्यार एक अजापीत प्राणी. तकलेन फीन. फर्स्ट क्लासींत मॅट्रीक पास जाल्लो भुरगो. घरचो तसो खातो-पितो. आवय-बापायचें शेतभात- भाटबेंस आसा. फुडें शिकप घेवपाचीय ताका आस्पत आसा. पूण ताका तें घेवपाचें ना. आतां कसलीय तरी सरकारी नोकरी धरची आनी फुडें प्रमोशन घेवन-घेवन अधिकारी जावचो ही ताची मोख. पूण कितलींशींच वर्सां जालीं, अप्लाय-अप्लाय नो रिप्लाय. ताका घरचें भुसकें मेळटा, पूण फोल्गांक थोडेभोव पयशे मेळ्ळ्यार मेळ्ळे म्हूण तो देवळा वाठारांत पोब्र फिदाल्ग जावन वावुरता. ताचो भेस, ताची नितळसाण आनी तोंडांतली इंग्लीश आयकून ताका लटरफटर कोण म्हणचोना. ताचें फेर्राद-धवेंफुल्ल खोमीस सदांच काळ्या काल्सावांत खोयिल्लें आसता. ताचें काल्सांव धोपरा मेरेन दोडिल्लें आसता. हो भेस तो मुजरत करता. कारण ताका लोकांक दाखोवंक जाय की तो त्या गांवचो पोब्र फिदाल्ग म्हूण!

हो पोब्र फिदाल्ग खुशाली भिकारी वा लाचार मात न्हय. तो कोणा मुखार दुडवां खातीर बी हात फाफडिना. तो फक्त समाज सेवक म्हूण थंय वावुरता. गोंयां भायलो कोणूय देशेंत आनी पेजाद मनीस आयलो तर खुशाली धांवलोच ताका येवकार दिवंक. ताका हिन्दी, मराठी आनी

इंग्लीश ह्यो तिनूय भासो बेसबऱ्यो येतात उलोवंक! ताका लागून सुर्वेक भेटिल्ल्या भोवंडेकारांक तो पारखून, फाव ते भाशेचो उपेग करून अशे तरेन येवकार दिता, की केद्याय व्हडल्या तिरसुवाद मनशाक तो आपलोसो करून सोडटा. फाटल्या चार-पांच वर्सांत खुशालीन कितल्याश्याच गोंयां भायल्या मनशांक आपले इश्ट करून सोडल्यात. ताचे हे इश्ट दुसरे फावट गोंयांत आयल्यार मुजरत खुशालीची चवकशी करतात आनी परत वतना ते ताच्या हातार धा-वीस रूपये दवरुनूच वतात. कारण खुशालीच्या मनांतलें गुपीत, ताच्या संपर्कांत आयिल्ल्या जणेकल्याक खबर आसता. परिस्थितीन ग्रासलेलो हो पोब्र फिदाल्ग भोंवडेकार थळ सोडी मेरेन ताका सुखदिणो वांगोड दिता. ह्या वांगडाचें मोल ताका बक्षीशी म्हूण मागनासतना मेळटा.

मात काशीबायन आयज खुशालीक पांच रूपया मायज वेगळ्याच कारणाक दिल्ले. टॅक्सी ड्रायव्हराक घेवन ती देवळाच्यो पायऱ्यो चडूंक सोदताली. तळयचें सामान घाल्ली पिशवी हातांत घेवन तिच्या वांगडा चलपी कोणूय जाय आसलो. ड्रायव्हराचो कपड्यांचो वास तिका सोसना जालो. नितळ कपड्यांतलो खुशाली तिका मानवलो.

‘‘तुजें नांव खुशाली मरे?’’ पिशवी हातांत घेवन टॅक्सींतल्यान देंवत काशीबायन प्रस्न केलो.

‘‘हय बाय!’’ खुशालीन दांत दाखयले.

‘‘बाय? हांव तुजें बाय रे? वयाचें तरी भान दवर पोरा! कसलीं बाये हीं आतांचीं पोरां....आई म्हणूंक जीब आडखळटा जाल्यार मावशी तरी म्हण! धर ही पिशवी हातांत, आनी चल म्हज्या वांगडा.’’

‘‘खंय मावशे?’’ खुशालीन खिणांत ‘बाय’ची ‘मावशी’ केली.

‘‘मसणांत ! नसत्यो चवकश्यो कित्याक? मुक्काट्यांनी चल. धा रूपयांची नवी करकरीत नोट दिल्या तुका.’’

पांचा सुवातेर धा कित्याक दिल्यात तें आतां खुशालीच्या लक्षांत आयलें. म्हातारी हिशोबी आसा. पांच रूपयांची भीक आनी पांचांची

हमाली. 'आलीया भोगाशी...' म्हूण पिशवी हातांत घेतली. 'मावशे-मावशे' करीत लागलो चालीक. काशीबायन खुशालीक आपल्या मुखार चलपाचो आदेश दिलो. एक हात भेंडार आनी दुसऱ्यान कापड सांबाळीत लागली चालीक नेटान!

काशीबाय देवालयाच्च्यो पायऱ्यो चडून सभाघरांत पावली. खुशाली कडसून तिणें पिशवी आपल्या हातांत घेतली. तितक्यांत पुजाऱ्याची नदर पिशवी आनी काशीबायचेर वांगडाच पडली. पुजारी एकदम काचाबूल जालो. ताणें आकांतून थंयच्या सेवेकऱ्याक उलो मारलो.

''आरे धर्म्या, काशीबाय आयल्या पळय. तिका बसोवन घे.'' गर्भकुडींतल्यान पुजाऱ्यान धर्म्याक आदेस दिलो. धर्मो हातांतलें काम सोडून धांवत आयलो. ताणें काशीबायकडसून पिशवी घेतली. तिका घेवन तो गर्दैतल्यान वाट काडीत बद्द गर्भकुडीच्या हुंबऱ्या मेरेन गेलो. काशीबायन देवाक नमस्कार केलो आनी पुजाऱ्यान काशीबायक.

तीर्थप्रसाद घेवन जातकच धर्म्यान काशीबायक एके खाशेले सुवातेर व्हरुन बसयली. खंयच्याय देवस्थानांत म्हाजनाक जितलो मान आसता, तेहून चड मान काशीबायक देवळांच्या सेवेकाऱ्यां कडसून मेळटा. सगळें ज्युस्ता ज्युस्त माण्णेर घालून, काशीबाय आतां घरा आयली. आतां तिचे मुखार एकूच मोख आसली आनी ती म्हळ्यार जाता तितक्या वेगीं पुताचे दोनाचे चार हात करून सुशेगाद जावपाची.

''रत्न्याऽऽ. गजाभाऊ आसा गो भितर?'' काशीबायन मोरयेंत वचून, थंडगार उदक तोंडार पचपचीत मारीत गजेंद्राची चवकशी केली.

''आसतलो काके, आतांऽ कुडींत बसून आमिगा वांगडा चकाटां मारतालो.'' रत्न्यान आपले कल्पनेंतली जाप दिली.

खरें म्हळ्यार गजेंद्र कुडींत एकांतांत बसून मंगेशा वांगडा गंभीरतायेन आपल्या लग्नाविशीं उलयतालो. रत्न्याक तीं चकाटां दिसलीं. दिसलीं म्हणचे परस रत्न्यान मुजरत तसो रंग दिलो.

हें रत्ने वावराडी आसुनूय तकलेन इल्लें चडूच फीन आशिल्लें.

ताची हुशारकाय पारखुनूच काशीबायन ताका आपली खाशेली अशी सेक्रेतारीण म्हूण दर्जो दिल्लो. हो अलिखीत दर्जो तांकां दोगांकूच खबर आशिल्लो.

काशीबाय फीन तकलेची मनीस. असल्या मनशांक सदांच आपली एक तरी विस्वासांतली व्यक्ती आसची अशें दिसता. काशीबाय चळवळी आनी दुबावीय बी. घरच्या आनी घरा भायल्या संबंदितांच्यो खबरो आपल्याक मेळच्यो म्हूण तिणें रत्न्याक सुचीत केल्लें. ते पासत ती रत्न्याक म्हयन्याक शंबर रूपये मायज दिताली. ह्या तिच्या आशिर्वादाक लागून रत्नें तिका आवडटा असल्योच खबरो रचून सांगतालें.

काशीबाय आयल्या हाची सुलूस गजेंद्राक लागली. ताणें मंगेशाक घरा धाडून दिलो. काशीबाय आतां ताच्या मुखार लग्नाची गजाल काडटलीच हाची खात्री गजेंद्राक आसली. दोन दीस गायब जाल्ली आपली आवय मावसभावागेर पावली आसतली हें ताणें ताडलें. आयज लग्नाची गजाल काडलीना तर ती आईच न्हय, अशें म्हूण आपले आवयक तोंड दिवपाचे तयारेन गजेंद्र तिची वाट पळेत बसलो. ताकाय लग्नाचो सोक्षमोक्ष एकदांचो लागिल्लो जायच आसलो.

काशीबाय आतां गजेंद्राचो सोद घेत ताचे कुडीच्या दारार पावली.

"आरे गजा, असो एकटोच बसून कितें चित्ता रे बाबा!"

"चिंतप हें एकट्यानूच करपाचें न्हय गे आई!" लांब सुस्कार सोडीत गजेंद्रान जाप दिली.

"खबर आसा रे पुता म्हाका. बापूय गेल्ल्याक तुज्या तोंडार केन्ना हाशें पळयलें ना. एकटो पडला पोर म्हजो. केदेंय व्हडलें दुयेंस एक वेळ सोसूं येत, पूण एकटेपण न्हय रे बाबा!" येदो वेळ उबयां उलयत आशिल्ली काशीबाय गजेंद्रा म्हऱ्यांत आशिल्ल्या कदेलार बसली.

"तूं दोन दीस खंय गायब जाल्ली? आनी खंयी पयस वतली जाल्यार, म्हाका एक उतर सांग आनी वच गे!" गजेंद्रान निर्शेल्ल्या आवाजांत म्हळें.

''रत्न्यान सांगूं ना तुका हांव खंय गेल्लीं ती? रत्न्याक सांगून गेल्लीं मरे हांव.''

''रत्न्याक सांगून शी? म्हजेकडेन उलोवपाचें बंद बी केलां काय कितें तुवें!''

''ना रे बाबा, म्हळें, तूं सदांच कामांत गूंग आसता. कामांत अडथळो कित्याक हाडचो काय म्हूण सांगलें ना तुका हांवें. आतां ह्या फुडें सांगून वच म्हण्टा तर तशें करतां.'' काशीबाय भितरल्या भितर गुणगुणली.

''हय, तुका आतां तशेंच करचें पडटलें. बाप्पा आसतना तुमचे मदीं जें कितें चलतालें, तें तुमच्या भितर आसतालें. आतां तूं एकटी जाल्या.''

''हांव एकटी ना. आनी तूं आसा तो?''

''हय, हांव आसां म्हणुनूच म्हण्टां. तूं कितें करता ताका म्हजेंय हातबोट लागूं दी. मनांत येता तें गुपचूप करपाचें सोडून दी आतां.'' गजेंद्र दुबावी भाशेंत उलयलो. गजेंद्र अशे तरेन आपले आवयकडेन पयलेच फावट उलयतालो. हाचे पयलीं आवयन कितेंय सांगचें आनी गजेंद्रान तें मुक्काट्यानी आयकुचें, अशेंच चलतालें. गजेंद्राच्या आतांच्या उलोवपान काशीबाय दुबावांत पडली. तिका दिसलें आपूण वसंतागेर वचून आयल्या आनी कित्याक, हें गजाक कळ्ळां जावंये! कितेंय जावं आपलें मन उकतें करपाक हीच वेळ बरी आसा. अशें येवजून तिणें म्हळें–

''गुपचूप करपाचें सोडून दी, अशें म्हण्टा मरे तूं? बरें आसा. तशेंच करतां. आयज मेरेन हांवें म्हज्या बऱ्या खातीर कसलींच कामां लिपोवन करूं ना. कितें केलां तें ह्या संवसारा पासत केलां. तेंय बीन कोण कांयच करूंक मुखार येनांत म्हणून! तुजो बापूय आसतना ताका संवसाराचें कितेंच लागलें ना.''

''तो सगळें करतलो आसलो. पूण तुवें ताका करूंक दिल्यार मगे?

तूं ताचेर हुकुमत कशी चलयताली, तें हांवें म्हज्या ह्या दोळ्यांनी पळेलां.''

''आग्गे म्हजे बाये! कितें उलयता रे तूं गज्या? हांव तुज्या बापायचेर हुकुमत चलयतालीं? मोट्यान उलोंव नाका. कोणूय आयकत तर खरेंच म्हण्टलो.'' काशीबाय पिंजळ्ळी.

''फट उलयना गे हांव.''

''आतां तशें म्हण्टलोच तूं. खरें-खोटें तपासपाक म्हजो कोण आसा हांगा! हक्काचो मनीस आशिल्लो तो गेलो म्हाका वाऱ्यार उडोवन. तो आसतना कोण्णूच ओंठ हालय नासलो ह्या घरांत.''

''तुजें दीस आनी रात तोंड हालतालें न्हय गे! मागीर हेरांक कशी संद मेळटली?'' गजेंद्रान थोमणो मारलो.

''कळटात रे म्हाका तुगेले थोमणे. म्हजो आवाज घुंवतालो ह्या घरांत म्हणुनूच सगळें ज्युस्ता ज्युस्त चलतालें. आतां सून हाडटां आनी म्हजो आवाज बंद करतां.'' काशीबाय आपल्या मनांतलें उलोवन मेकळी जाली.

''सून हाड, पूण म्हजे पसंतीची मात हाड. ना तर बांदशी हाडून म्हज्या गळ्याक, तुज्या नात्यांतली.''

'नात्यांतली' हें उतर आयकून काशीबाय चपापली. वसंताले चलयेक मागणी घाल्या हाची सुलूस बी लागल्या काय हाका? आनी लागूं लागल्यार. कोणाक कोंत आसा? काशीबायचें हट्टी मन आतां जागें जालें.

''नात्यांतली जाली म्हूण कितें जालें, तुका फाव तसलीच हाडटलीं हांव.''

''म्हाका कसली फावता, हेंय तूंच थारायतली काय कितें गे?'' गजेंद्रान उत्सुकतायेन प्रस्न केलो.

''म्हजी सून, तुका आनी म्हाकाय फावता तसली आसूंक जाय. ती गोरीगोमटी आनी शिकिल्लीच आसली म्हळ्यार जायना. घराब्याच्या गिरेस्तकायेंत भर घालपी लक्ष्मीय आसूंक जाय. हांव पळोवन आयलां

तुजे खातीर असले चलयेक. तुका ती मानवंकूच जाय.''

''म्हाका मानवता तसली चली हांवें पळेल्या. हांवें तिका लग्नाचेंय उतर दिलां.'' गजेंद्र ठामपणान उलयलो.

''पुरो जालीं आं फकाणां! हे आदीं आवय-बापायचीं असलीं फकाणां कोणें करूं नात ह्या घराण्यांत.''

''हांवय फकाणां करिना. खरें तेंच उलयतां.''

''कितें खरें उलयता रे तूं? बापूय ना म्हणून कितें जालें. आवय आसा मरे तुजी जिती? आवयक लिपोवन कोणाकूय लग्नाचें उतर दिवप हें खरें जावं येता? तुगेलें हें खरें, तूं सांगता म्हूण हांव मानूंक तयार ना. म्हज्या पुताचेर म्हजो पुराय विश्वास आसा. तो असलीं पिशेपणां केन्नाच करचो ना.''

''तूं जाका पिशेपणां म्हण्टा, तीं करून मेकळों जालों गे आई हांव. आतां हांवें दिल्लें उतर म्हाका फाटीं घेवंक जमचें ना.''

''तशें जाल्यार तूंय आयक. म्हजे खातीर तुका उतर मोडचेंच पडटलें. आवय तुजी हांव. णव म्हयने पोटांत वाडयला तुका हांवें. बरें घराणें पळोवन तुजें लग्न करपाचो अधिकार म्हजो. हांव तो कसोच सोडचीं ना.''

काशीबाय उलोवन गेली खरी, पूण ती बरीच हाल्ली, गजेंद्र ह्या थरार पावत हें तिणें केन्नाच चिंतलें ना. गजेंद्र एके चलयेच्या मोगांत पडला हाची सुलूस तिका लागिल्ली खरी. एके चलयेविशीं गजेंद्र आनी मंगेश उलयतात ती गजाल रत्न्यान चोरून आयकल्ली. ती ताणें काशीबायच्या कानार घाल्ली. पूण काशीबायन ती तितलीशी मनार घेतली ना. उलयतात आसतले ते चलयांविशीं. वय मानार करता. आतां चलयांविशीं उलयना तर आनी केन्ना उलयतले? पूण ते उलयतात म्हूण आपूण जावन, चलयांकडे ना तर तांच्या आवय-बापायकडे वचून लग्नाची मागणी थोडेच घालतले? एकाद्रें चली आवडलें तर, येवन निदान आपले आवयक विश्वासांत घेवन सांगतले काय ना? गजेंद्र तरी

अशेंच करतलो हाची काशीबायक खात्री आशिल्ली. ताकाच लागून तिणें रत्न्याक तापोवन काडलें आनी दमूय दिलो की हाचे फुडें ताणें गजेंद्राच्यो कसल्योच गजाली चोरून केन्नाच आयकुच्यो न्हय.

रत्नें चाडयाळें आसलें तरी तें शिस्तिचें आसलें. काशीबायकडे तर तें चडूच शिस्तीन वागतालें. कारण काशीबायच्या कसल्याच वेव्हाराकडे लक्ष दिनासतना तिचे आदेश मोन्यानी पाळपांतच फायदो आसतालो ताचो.

काशीबायच्या तापोवण्या उपरांत रत्न्यान गजेंद्राच्या सगळ्या तरेच्या हालचालींकडे लक्ष दिवपाचें सोडून दिलें. इतलेंच न्हय गुरूजी येवन आपले चलयेविशीं उलोवन गेलो हाची पुराय खबर आसूनय ती रत्न्यान काशीबायक सांगलीना.


आपलो पूत आपले सांगणे-म्हणणे भायर केन्नाच वच्चोना हाची पुराय खात्री आशिल्ली काशीबायक. जल्मापासून तर गजेंद्राची वागणूक तशीच आसली. लग्नाचे बाबतींतूय अशेंच घडटलें. आपूण सांगतां तेच चलयेकडेन गजेंद्र दोळे धांपून लग्न करतलो. पूण जालें भलतेंच. गजेंद्रान आपले आवयचें आवयपण थंयचे थंयच जिरोवन उडयलें. तशें करपाक ताका कांयच वायट दिसलें ना.

काशीबायक मात आपलो पूत हाता भायर गेला हाची पुराय जाणविकाय जाली. तरी ती हार मानूंक तयार ना. ती हट्टाक पेटली. जाता जाल्यार पुताचेर भावनीक चेपण हाडून आपलो हेत साध्य करपाचे तयारेन ती उबी रावली.

घरांत आतां थोडो वेळ किण्ण पडलें. घरभर शांतकाय पातळ्ळी. घरा भायल्या रस्त्यांचेर मात गाडयांचो सारको घरघर चालू आसलो. मोटर-सायकली, मोटरकार्स, स्कुटरी उसंत नासतना धांवताल्यो रस्त्यावेल्यान. वेगळ्या-वेगळ्या गाडयांच्या वेगवेगळ्या हॉर्नांचे आवाज आयकुप्यांक आकर्शून घेताले. ह्या आवाजांफुडे मनशांचे आवाज सामकेच फिके पडटाले. गजेंद्राचें लक्ष फक्त आतां ह्या आवाजांकडे

आसलें. ताच्या मनांत कसलोच गोंदळ नासलो. गोंदळून गेल्लें तें फक्त काशीबायचें मन.

गजेंद्राचें मत्त आयकून काशीबायन चिंत...चिंत चिंतलें. मागीर ती सट्ट करून उठली. कापडाचो पदर नाका-दोळ्यांक लायत, निर्शेल्लो चेरो घेवन भायर मेरेन गेली. नदरेक पडटा तितल्याय झाड-माडांचेर नदर मारून परतली आनी बद्द कुडींत वचून, रडकुऱ्या चेऱ्यान गजेंद्रा कुशीक आशिल्ल्या कदेलार वचून बसली. मागीर राग्गान तिणें गजेंद्राचेर नदर मारली. तिचें कितें चल्लां हाचेर गजेंद्राचें शिंतीद आशिल्लें, पूण गजेंद्र हातांतल्या म्हयन्याळ्यांत तोंड खुपसून वोग्गी बसून रावलो. आपल्या वळवळ्यांचो गजेंद्राचेर कांयच परिणाम जायना ही गजाल काशीबायक होलमली. तिणें आपूण जावन उलोवपाक सुरवात केली-



"म्हणटकूच हांव ताका कितें सांगू रे!"

"कोणाक?"

"वसंताक!"

"हो आनी कोण वसंत?"

"कोण वसंत? वसंताकूय विसल्लो रे बाबा, जालें. आतां सगळ्या सोयऱ्यां धायऱ्यांक, आपले-पेल्यांक फाट करून बस."

"गरजे भायर तशें कित्याक करीन हांव! पूण हो वसंत कोण, आनी ताचो म्हज्या लग्नाकडे कितें संबंद, हाचें स्पश्टीकरण जाय म्हाका."

"स्पश्टूच सांगतां, आयक. वसंतमामाक वळखता मरे तूं?"

"हो आनी मामा खंयचो, नवोच सो?" गजेंद्रान आपूण कांयच नकळो अशें करून दाखयलें.

"आवय म्हजे ! कितें रे बाबा तूं असो? खऱ्यांनीच वळखना, काय नाटकां बी करता रे? येद्दोसो आसतना, कितले फावट वचून रावला मरे तूं तांगेर. ताचे चलये वांगडा खेळ्ळा-बागडला. सगळें विसल्लो?"

गजेंद्राक आतां आपल्या भुरगेपणाची याद जाली. काशीबायन ताका आपल्या वांगडा कुंभारजुव्यां एक-दोन वेळां व्हेल्लो. तो ते वेळार

स-सात वर्सांचो आशिल्लो जावंये! वसंतालें चली तीन-चार वर्सांचें आशिल्लें. गजेंद्र थंय गेलो म्हण्टकूच ते चलये वांगडा खेळटालो ही काशीबायली गजाल खरी आसली.

गजेंद्राक काशीबायल्या मावसभावाचें-वसंताचें घर खूब आवडटालें. हें घर शेंबर-देडशें वर्सां पयलीं बांदिल्लें. तरी तें आजूय गडगंज आसलें. घराचीं दारां शिशाचीं. मुखेल पाटयो सायल्याच्यो. घराचे पारे खूब दाटायेच्या चिऱ्यांचे आसले. घराक विशाळ अशी माळी आसली सायल्याच्या दाट फळयांची. गजेंद्राक हे माळयेचेर गुबू-गुबू करून धावूंक खूब आवडटालें. तो रस्तीन फुडें धांवतालो आनी ताका धरूंक धाकटुशें बायू. ह्याच बायुकडे काशीबाय गजेंद्राचें लग्न लावंक मुखार सरिल्ली. गजेंद्राच्या ध्यानी-मनी नासतना.

गजेंद्राचें मन रसीक आशिल्ल्यान, भुरगेपणांत ताका वसंतमामालें घर खूब आवडटालें. ताच्या घरा फाटली जमीन मात्शी उंचवटी आशिल्ली. ती दोंगरी नासली तरी मदीं-मदीं काळशीं-धवशीं तळपुलां पातळून आशिल्ली. हांगा-थंय कोण्याळी आसल्यो. खंय-खंय आमुल्ल्यो उब्यो आशिल्ल्यो. हुस्के झोपांय मदीं-मदीं आशिल्लीं. पयस-पयस बुटकीं काजू झाडां आशिल्लीं.

घरा फुडल्यान एक अशीर तांबडो रस्तो गेल्लो. ह्या रस्त्याच्या दोनूय वटयां कलमी आंब्यांचे रूख दाटायेन उबे आशिल्ले. धोंगे-पोंगे पणसा रूखूय व्हडाधिकारान जंय थंय थाण मारून आसले.

घरा फुडलें भाट सोंपतकूच दाव्या-उजव्या दिकांनी शेकानशेक पातळिल्लें शेत. त्याय फुडें, खाडीच्या उदका पसून राखण करपी लांबचो लांब बांद. ह्या बांदार वाडिल्ल्या इंफळिच्या झाडांतल्यान दिसतालीं तीं खाडींतल्यान शिडां सोडून संथ गतीन वचपी व्हडीं. हे मनओडे देखावे गजेंद्राचे यादींतल्यान हो वेळ मेरेन सुटूंक नाशिल्ले.

फुडें वसंताचें आनी गजेंद्राच्या बापायचें कसल्या तरी कारणाक लागून बिनसलें. हें बिनसवणें जाल्लें काशीबायचे अरेरावीक लागून.

मात तेन्ना पसून वसंतान काशीबायच्या घराक पांय दिलो ना, तो हे मेरेन ना. काशीबायक मात तांगेर गेल्या बगर सूख लागलें ना. आपल्या घोवाक चडूच जाळ पडचे म्हूण तिणें वसंतागेर येवप–वचप वाडयल्लें. आनी एक म्हत्वाची गजाल, वसंत काशीबायची खिणा कणकणी तुस्त करतालो. तिचे गिरेस्तकायेची, भांगरा–शिंगरांची, बुद्‌दीमत्तेची आनी तिच्या सोबावाचीय बी! ताकाच लागून तांची इश्टागत घट्ट जाल्ली आनी आतां ती वसंतालें चली सून म्हूण घरांत हाडून, आपलें नातें लागींचें करूंक सोदताली. पूण तिका येश मेळटलें?

थोडो वेळ मान सकयल घालून काशीबाय गजेंद्राचे प्रतिक्रियेची वाट पळेत रावली. गजेंद्र गप्प बसलो तें पळोवन तिणें मानेक एकूच झटको दिवन गजेंद्राकडे वळयली.

"म्हण्टकूच हांव ताका कितें सांगूं रे?"

"कोणाक?"

"वसंतमामाक!"

"हें पळे आई, तूं जें पळे कितें घडोवन हाडूंक सोदता, तें म्हाका मात्तूय मान्य ना."

"कित्याक मान्य ना, मान्य आसूंकच जाय. मान्य नासूंक हांव कितें वांकडें करता रे? आवय हांव तुजी, दुस्मान न्हय आं! हांव कितें करतां तें तुज्या बऱ्या खातीरूच."

"कळ्ळें म्हाका, तूं म्हजें कितलें बरें करूंक सोदता तें. तुका म्हज्या बऱ्याची काळजी आसली जाल्यार म्हाका कळयल्या बगर चलयेच्या बापायक उतर दिवन मेकळी जावची नासली."

"उतर दिलें रे हांवें. तेंय तुजेर विस्वास दवरून. म्हाका खंय खबर आसा, तूं इतलो बदल्ला म्हूण!"

"हें पळे आई, आतां हे बाबतींत उलोवन कांयच फायदो ना."

"अशें कितें उलयता रे तूं? म्हाका विकून दिता मरे लोकांकडे?" काशीबाय पिंजळ्ळी.

“अशी हट्टाक पेटूं नाका गे आई, हांगा कोणे कोणाक विकपाचो प्रस्नूच ना. सांग तुज्या त्या मावसभावाक की हांव ताचे धुवेकडे लग्न जावपाक तयार ना म्हूण!”

“आरे, ताणें लग्नाची तयारी चलयल्या. आतांच हजारांनीं रुपये जाल्यात!”

“ताका हांव जबाबदार ना.” गजेंद्रान हात वयर काडले.

“जबाबदारीची भाशा करूं नाका रे पुता म्हज्या, मनीसपणाची उलय.” काशीबाय काकुळटेक आयली.

“आई तुवें म्हाका समजावपाचो कितलोय येत्न केलो, तूं कितलीय काकुळटेक आयली, तरी ताचो म्हजेर इल्लोय परिणाम जाय सारको ना. तूं आतां तुजी चांचाळ बंद कर, आनी कामाक लाग.” गजेंद्र चवताळ्ळो. तो फट्ट करून उठून जनेलाकडे गेलो. गजेंद्राचो अवतार पळोवन काशीबाय आकांतली. तिणें भयान ‘आं’ केल्लें तोंड केदो वेळ धरिल्ल्यावरी तशेंच उरलें. सदांच आवयच्या धाकांत आशिल्लो गजेंद्राचो सोज्वळ चेरो तिका आयज भयावणो दिसलो. काशीबाय सुर्वेक मात्शी कचरली. मागीर ती थरथरली. इतली की तिच्या तोंडांतल्यान उतरां सुटनाशीं जालीं. गजेंद्राच्या रूपांत तिका आतां आपल्या घोवाचें रागीश्ट रूप दिसूंक लागलें. राग येवनूय जल्मभर सोशीकताय दाखोवपी गजेंद्राचो बापूय आयज गजेंद्राचे कुडींत येवन काशीबायक आपलो पुरूशार्थ दाखोवपाच्या नेटान उबो जाल्लो. जितेपणांत तो जें करूंक शकलोना, तें तो आतां करून दाखोवपाचे तयारेंत आसलो.

काशीबायन घोवाचे सोशीकतायेचो जसो लाव घेतलो तसो ती आपल्या पुताचोय घेवंक सोदताली. पूण पुताचो अवतार पळोवन तिका आतां कळून आयिल्लें की आपलीं शाणेपणां आतां कोणाफुडें खपचेलीं नात.

एकठांय आशिल्ले एकरूपी दोन पक्ष आतां दोशीं जाल्ले. कितलेय प्रयत्न केले तरी एकमत्तान चलपाची आस बाळगूंक शकनासले. कुडींनी

एकठांय आसले तरी मनान विस्कटिल्ले.

काशीबाय गजेंद्राची आवय आसली तरी ती म्हा-धुर्त आसली. गजेंद्र आपल्याक कसोच बदना तें पळोवन तिणें आतां तात्पुरतें मारतें घेतलें. कितें घडलां, कांयच ना अशे तरेन ती आतां वागूंक लागली. केन्ना वागूं नासली तितली ती आता गोडयेन वागूंक लागली. आवयची वागणूक पळोवन गजेंद्र मात्सो नरमलो.

गजेंद्र आपल्याकडे नमळतायेन वागता तें पळोवन तिणेंय माया-मोगाचें दर्शन घडोवपाक कोमेस केलें.

"बाबा गजा, जालें-गेलें तें विसर बाबा आतां. आरे, तुजें वाकडें जाल्लें म्हाका जाय रे पुता? आवय मरे हांव तुजी! तुजें सूख तें म्हजें. वसंतमामालें चली नाका मरे तुका, सोडून दी. जा तुका जाय ताचेकडेन लग्न. मात एक, हें लग्न वयर-वयर म्हज्या मना आड आसूनय, मनांतल्यान म्हजे आशीर्वाद आसतले तुका. हें नाटक वसंताच्या दोळ्यांक उदक लावपा खातीर करचें पडटा म्हाका. ना तर कायमचो दुस्मान जावन बसतलो तो. आतां प्रस्न आसा तो ताणें केल्ल्या खर्चाचो. उडयतां दिवन लुकसाण भरपाय. चूक जाली तर खरी."

गजेंद्रान सगळें मोन्यानी आयकून घेतलें. आवयचेर तो विस्वास कितले मेरेन दवरतलो? मात दुर्ग्याकडे लग्न जावपाची आडखळ आतां पयसावल्ली.

:६:

कांय लोकांचे बाबतींत 'देव दिता आनी देवचार नाडटा' म्हणपाचें घडटा. जणेका मनशाच्या जिवितांत ताच्या लग्न सुवाळ्याक चड म्हत्व आसता. गरिबांतलो गरीब लेगीत आपलो लग्न सुवाळो व्हडा दबाज्यान जावंचो म्हूण काळजी घेता. लग्नकार्याच्या निमतान सगळ्या सोयऱ्या-धायऱ्यांनी, इश्टांमित्रांनीं घराक पांय लावन, वधू-वराचेर आनी कुटुंबाचेर आशिर्वादांचो पावस घालचो, अशी आस्त बाळगून आसतात यजमान

लोक. देवाचे कृपेन, भटा-बामणाच्या आनी आवय-बापायच्या आशिर्वादांनी घडोवन हाडिल्लो लग्न सुवाळो जोडप्यांक जल्मभर सुखान दवरता, अशी समजीकाय आसता जणेकल्या समाजांतल्या लोकांची!

आपलें लग्न वैदीक पद्दतीनूच जावंचें अशें गजेंद्राक दिसतालें. श्रीमंत कुटुंबांत जल्म घेतिल्ल्या खूबशा युवक-युवतींचीं लग्नां ताणें पळेल्लीं. ताणें पळेल्ल्या आयज मेरेनच्या लग्न सुवाळ्याचो नियाळ केल्या उपरांत ताणें थारायलें -आपलो लग्न सुवाळो आपूण अशे तरेन घडोवन हाडटलों, कीं पळयतल्यांचे यादींत तो जल्मभर उरचो. ताचें सपन साकार जावपाक कसलेंच आडमेळें येवपाची शक्यताय नासली. कारण ताचे आवयच्या मनांत कितें शिजता हाचो पत्तो तेन्ना ताका लागूंक नासलो. ताचे सोयरे धायरे आनी इश्टमित्र ताका राजकुंवराचो मान दिताले. ह्या राजकुंवराच्या लग्नाची वाट शेंकड्यांनी न्हय, तर हिसपा भायर लोक पळेत आसले. गजेंद्रान आनी ताच्या बापायन आपापले परीन लोकसंग्रह करून दवरिल्लो. काशीबायच्या उतराक लागूनय लग्नाक बायलांची गर्दी जाय सारकी आसली, आनी आतां? आतां खंयचेकडे कांयच ना. गजेंद्राले मनांतले मांडे मनांत उरले. काशीबायल्या मनांतलीं सपनां वाऱ्यार उडून गेलीं. तिणें पुताच्या लग्नाक आपलें आडमेळें हाडचें न्हय अशें थारायलें खरें, तरी तिचें काळीज खंतावलें. हें खंताळें काळें काळीज घेवन ती लग्नादिसांनी घरांत वावरूं शकली ना. ते काळ्या काळजाचे बायलेन आपल्या तोंडाचेर फाल्स हांसो दाखोवन वावुरपाचो खूब येत्न केलो, पूण तिका तें जमलें ना. शेकीं ती आपूण बरी ना म्हणपाचें निमित्त करून मावसभावागेर गेली. काशीबायलें मानसीक दुयेंस पुताचें लग्न जाय मेरेन निवळ्ळें ना. तिचें दुयेंस बरें जावंक एका म्हयन्याहून चड तेंप लागलो.

आपूण बरी नाशिल्ल्याचें निमित्त करून काशीबाय घरांतसून भायर सरून गेली खरी, पूण तिणें वतना रत्न्याची मूठ चडूच गरम केली. तिणें लग्न सुवाळो सोंपमेरेन जें कितें घडटा ताची बारीक सारीक सगळी म्हायती

आपल्याक दिवपाची ओर्द रत्न्याक दिली. फाटीं गजेंद्राचेर विश्वास दवरून रत्न्याची तिणें खरडपट्टी काडिल्ली. आतां तिका पिकासांव जाता, ही गजाल काशीबायन रत्न्याक उलोवन दाखयली.

येवजणे प्रमाण गजेंद्राचें लग्न एका सुसोबीत सभाघरांत जालें. गजेंद्राचे नातेवायीक कोणूच नाशिल्ले म्हणल्यार जाता. इश्टमित्रांची संख्या शेंबराहून चड नासली. गुरूजी वटयांचेय आमंत्रीत तितलेच आशिल्ले. वट्ट दोनशेंच्या जवळपास लोक हाजीर आशिल्ले लग्नाक. जांकां आमंत्रण दिल्लें ते एकान एक आयिल्ले. बेटींच कोल्या आमंत्रणां दिवंक नाशिल्लीं. खाणा-जेवणाचीय वेवस्ता चोख जाल्ली. खोजने, फुगेट्यो, वाजप-गाजप बी तसलें कांयच नाशिल्ल्यान सभाघरांत शांतकायेचें साम्राज्य पसरिल्लें, मात शेनायच्या मधूर सुरांनी भायर-भितरलें सगळें वातावरण सुखदिणें जाल्लें. गुरूजीन आपल्या इस्कोलांतल्या शिकपी म्हालगड्यांचो एक पंगड तयार केल्लो. ह्या पंगडांतल्या जणेकल्या हुशार आनी समजीकायेच्या भुरग्यांचेर एकेक जापसालदारकी सोंपयली. हेत हो की देशेंतकायेन आनी शांतकायेन लग्न सुवाळो पार पडचो. आपल्याक न्हय तर न्हवऱ्याक फाव सारको दबाजो घडोवन हाडपाची काळजी घेतली गुरूजीन. फकत लागसारच्या लोकांक आमंत्रीत करून घडोवन हाडिल्लो लग्न सुवाळो, लोकांच्या काळजांत चड तेंप घर करून कसो उरता, हें ह्या लग्न सुवाळ्यान लोकांक पटोवन दिलें.

गजेंद्राचो लग्न सुवाळो उलगलो. गजेंद्राले इश्ट-मित्र, गिरेस्त आशिल्ल्यान तांकां ह्या लग्न सुवाळ्याचें व्हडलेंशें कांयच दिसलें ना. ते आयिल्ले फकत फोर्मालदाद करूंक. व्हंकले वटयांचे लोक मात ह्या लग्नकार्यान भारावले. कारण हे लोक मध्यम वर्गीय आशिल्ल्यान इल्ले हिशोबी. खर्च हात राखून करपी. आनी हांगा तर सगळें ठाकठीक. गजेंद्राचे मान्यतायेन गुरूजीन दुडवांची उदळण केल्ली. तरी तो कोणाक फालतू खर्च असो दिसलो ना. गरीब गुरूजीक गिरेस्तकायेच्या मोलाची पुराय

जाणविकाय आसली. अशी जाणविकाय आशिल्लेच मनीस हातांत आयिल्ल्या धनाचो सदुपेग करून घेतात.

देखणो लग्न सुवाळो संपन्न जाल्या उपरांत गजेंद्र नववधूक घेवन घरा आयलो. वांगडा व्हंकलेक पावोवपाक धा-पंदरा लोक आयले. लोकामदें बायलोच चड आशिल्ल्यो. न्हवऱ्या-व्हंकलेक भितर काडपाचें काम रत्न्याच्या आदारान ताराक करचें पडलें. हें तारा म्हणल्यार मंगेशाची बायल. मंगेश हो गजेंद्राचो इश्ट.

व्हंकलकारांच्या खाण्या-पिण्याची वेवस्ता तारान बेस बरी केल्ली. तीय एका गिरेस्ताल्या घराब्याक फाव तशीच.

व्हंकलकारांची उठपा-बसपाची वेवस्ताय वाखणण्या सारकीच आसली. एका भव्य-दीव्य सालांत तरेक तरेचे सोफा मांडून दवरिल्ले. सोफांक सोबीतकाय हाडटा तसलींच लोडां आनी उशीं फाव त्या सुवातांचेर सजयल्लीं.

सालाच्यो वण्टीय विविद चित्रांनी सजयल्ल्यो. वण्टींचेर गजेंद्राल्या पुर्वजांचे फोटे फासक्यांनी बसोवन अडकयल्ले. सालाच्या मदेकाक एक वाटकुळ्याकाराचें व्हड झुमर लांबतालें.

हेर सुवातांचेर बड-बड बडबडपी ह्यो ल्हान-व्हड वयाच्यो बायलो, ह्या घरांतलें वैभव पळोवन कांय वेळ अवाक जाल्ल्यो. शिक्षकांच्या कातीगुरीच्या बायलांक हें वैभव पळोवंक नवें आसलें. दुर्ग्याक तें फावो जालें म्हूण कांय जाणांक मनांत सावन बरें दिसलें, तर कांय जाणां मनांतल्या मनांत जळफळ्ळीं. तांच्या मनांतले भाव तांच्या चेऱ्यावेल्यान कोणाच्यानूय सहज पारखूं येतालें.

मनांतले विचार व्यक्त करिनासतना रावपी बायलो साप्प थोड्यो आसतात. हांगाय जेमतेम चार-पांच मिण्टां वोग्गी बसून आशिल्ल्या बायलांची आतां चांचाळ कोमेस जालीच.

"नशीब बरें गे बाये पोराचें." म्हऱ्यांतले बायलेक आयकूंक येता तशें, सुस्कारो सोडीत एक बायल उलयली.

“नशिबान घोव भोगचो, अशें आदले तेंपावेले जाण्टे म्हण्टाले तें फट जाता?” दुसरे बायलेन आपलें गिन्यान उक्तायलें.

“तीं पुराणांतलीं वायंगीं आतां उपकारतात गे? आदल्या तेंपार घराबे पळोवन लग्नां थरतालीं. थंय गुणांक वालोर कोण दितालो?” गुरूजील्या इस्कोलांत शिकोवपी टिचरीन, वत्सलान मदेंच फोण्ण घालें.

“हें मात खरें गे बाये. आतां तेंपार शिक्षण, गूण, वागणूक बी पारखुनूच न्हवरो व्हंकलेक मागणी घालता. न्हवऱ्या-व्हंकलेच्यो आवडी-निवडी एकामेकाक समजल्यार घोव-बायलांचो संवसार फुडें बरो चलता न्हय गे!” पयले बायलेन टिचरीक तेंको दिलो. टिचरीक फुडें उलोवंक नेट आयलो.

“तुकाच म्हूण सांगतां. हांगेलें लग्न मोगान जालां आं!” टिचरीन गुपीत उक्तायलें.

“खरेंच गो वत्सला? आग्गे म्हजे बाये! तुवें बरी नविदाद सांगली मगो म्हाका..... असो कसो जमलो गो तांचो मोग? खंय हें श्रीमंत नायक घराणें आनी खंय हो शाळामास्तर! कहां राजा भोज और कहां गंगू तेली!”

निवृत्तीकडे पाविल्ले दुसरे एके टिचरीन आपूण हिन्दी पंडिताईन म्हूण दाखोवपाची संद सोडली ना.

“मोगाक दोळे ना म्हणटात तें जाणा मगो तूं?” तिसरेच एके बायलेन आपलो मोगा विशींचो अणभव उलोवन दाखयलो.

“आनी फुडलें सांगल्यार तुमकां अजाप दिसतलें.”

“सांग तूं. दिसूं दिसल्यार अजाप.”

“दुर्गें कितलेच फावट लग्नां आदीं तागेले गाडयेंत बसून सिनेमाक गेलां. हांवें पळेलां ह्या म्हज्या दोळ्यांनीं.” वत्सला आपले दिश्टीन गुरूजीचें नांव बदनाम जाता जाल्यार जावंदी म्हूण उलयलें. एक फावट गुरूजीन ताका लिव सेंक्शन करू नासली. ताचो वचपो काडपाचो येत्न ताणें हांगा केलो.

“आपल्याच न्हवऱ्या वांगडा गेलें मगो तें सिनेमाक, तातूंत कितें

वांकडें जालें बाये?''

''येदे व्हडल्या गिरेस्ताल्या चल्या वांगडा एका गरीब शिक्षकाले चलयेन गाडयांनी भोंवप सारकें दिसता गे तुका? तरी बरें म्हूण बरें, एकदाचें लग्न जालें.''

आठ-धा बायलांमदें चार-पांच दादले बसून आसले. तांकां ह्या वाचाळ बायलांची बडबड मात्तूय आवडली ना. आदले तेंपार बायलो दादल्यांक मात्श्यो तरी दचकताल्यो. आयज तो तेंप उरूंक नाशिल्ल्यान दादल्यांकूच बायलां मुखार दचकून रावचें पडटा.

दादल्यांमदें एक-दोन वयस्क आसले. तांकां दिसतालें ह्या बेताल बायलांचेर एक धेंगसो घालचो. पूण ताणीं तशें केलें ना. धेंगशान नरमवपी बायलां नाशिल्लीं तीं. तांकां वोगी करचे परस आपुणूच भायर गेल्यार बरे म्हूण वयस्कांनी थंयच्यान अचळय कूस मारली. तांच्या फाटल्यान हेरूय कडसरले.

दादले उठून गेल्या उपरांतूय थंय कसलोच फरक पडलोना. बडबड चालूच उरली.

थंय बशिल्ल्यो सगळ्योच बायलो निर्लज्ज नासल्यो. तांचेमदें एक सत्तर-पंचात्तर वर्सांची समजिकायेची बायल आसली. तिका ह्या चांचाळांची वाचाळकाय मात्तूय आवडनासली. ती दोन समजीकायेचीं उतरां उलोवन बायलांची बडबड थांबोवंक सोदताली. तिका उलयनशें दिसतालें पूण उलोवंक शकनासली. उलयल्यार मुखावेल्या दातांचें खांवटें हेरांक दिसतलें म्हूण ती तोंड उक्तें करपाक फाटीं सरताली.

तरी जंय कसल्याय गजालींचो अतिरेक जाता थंय तो पालोवपाची वेवस्ता ईश्वरान केल्लीच आसता. येदो वेळ मोन्यानी आनी निर्विकारतायेन बसून आशिल्ली एक समजिकायेची बायल ताट्ट करून उबी जाली. ती उबी रावून बायलांक अशे तरेन पळोवंक लागली की तिच्या दोळ्यांच्या प्रभावान थंयच्यो हेर सगळ्यो बायलो कावऱ्यो बावऱ्यो जाल्यो. तांची गडबड आनी बडबड खिणांत बंद पडली. ती कितेंय तरी सांगूंक सोदता,

हाची जाणविकाय त्या बायलांक जाली. तांचे अदाशी कान ते तेजस्वी बायलेच्या तोंडांतलीं उतरां आयकूंक आशेवन रावले. एकाद्र्या राष्ट्रीय नेत्याच्या पुण्यतिथी दिसा दोन मिनटां शांतकाय पाळटात तशी शांतकाय त्या सालांत अणभवाक आयली. ही शांतकाय चिरीत ते तेजस्वीनीन उलोवंक कोमेस केलें– ''आगे बायांनो, तुमी कितें आडायलां? शिकिल्लीं सवरिल्लीं बायलां तुमी. जनाची ना तर मनाची तरी धरात मगे. तोंड आसा म्हूण व्हांवयत रावतात? वेळ, काळ आनी प्रसंग कसलो तो पळयात. तुमी हांगा व्हंकलेक पावंक आयल्यांत. महिला मंडळाचे सभेक न्हय. लग्नाच्या सभाघरांत बोवाळ घालो तो पुरो जालो ना? हें न्हवरेकारालें घर, हांगा शिस्तीन बसूंक जाय, चतरायेन उलोवंक जाय, हाची जाणवीकाय तुमच्या असल्या बायलांक आसूंक जाय आसली. तुमच्या म्हऱ्यांत हीं ल्हान-सान भुरगीं बसल्यांत, तांचो तरी विचार करात मगे! कसली देख दितात तुमी तांकां?'' तेजस्वीनी मोठ्यान उलयली ना. थंयच्या बायलांक आयकूंक येता तशेंच उलयली. पूण पयलीं शांता रूप घेवन बशिल्ले तेजस्विनीन आतां चंडिके रूप धारण केल्लें. हें रूप पळेनाफुडें सालांत बशिल्ल्या बायलांवेलीं भुतां खंयचे खंय पळून गेलीं, हाचो पत्तो कोणाक लागलो ना.

हीच तेजस्विनी तासभर आदीं लग्नाघरांत बायलां मदीं बसून आशिल्ली. ती शांत बशिल्ली. तरी तिचे कान-दोळे हॉलांतल्या सगळ्या बायलांची हालचाल मनपटाचेर टिपताली.

ही तेजम्विनी बायलां मदली बायल. पूण तिच्यांत आनी हेर बायलांत जमीन-मळबा इतलो फरक आसलो. चडश्यो बायलो नवश्रीमंत आसल्यो. एका तेंपार हांचे घराबे अन्नाक पादीशेर आशिल्ले. मोडक्या घरांनी आनी खोपट्यांनी वास करताले. आयज हे घराबे गाडयो, भांगरां-शिंगरां सांबाळून फ्लॅटांनी रावतात. तांच्या पदराक थोडेंभोव शिक्षणय आसा. पूण अकलेचे कांदे. मुर्खतायेच्यो खणी. जोडिल्ली जोड प्रसादनाक आनी कपड्यालत्त्याक खर्च करून आपल्या भुरग्यां बाळांच्या आनी हेर

जाण्ट्यां-नेण्ट्यांच्या जेवणा-खाणाकडे दुर्लक्ष करपी ह्यो आधुनीक बायलो पळोवन तेजस्विनीचें मन सतत खंती जातालें. पूण तिच्या मुखार कसलोच उपाय नासलो. नारी रूपाचो एक व्हडलो वांटो, मुर्खतायेच्या जाळांत सांपडून ह्या देशाचें व्हड लुकसाण करता हें तेजस्विनी उकत्या दोळ्यांनी पळेता. तेन्ना तिका दिसता ह्या मुर्ख बायलांक खडसावन काडचीं. तांकां तांची खरेली सुवात दाखोवची. पूण त्या वक्तार तिका तें जमलें ना. कारण वेळ-काळाचें भान दवरूनूच तेजस्विनी आपल्या मोलादीक उतरांचो उपेग करता. कारण तिका नारी शक्तीची विटंबणा जाल्ली नाका आसता.

सुर्वेक शांत आशिल्ले एके नारीन चंडीकेचें रूप धारण केल्या उपरांत, ती तेजस्विनी जाली. तिच्या दोळ्यांतल्या तेजाचीं किरणां सालभर फांकलीं. मळबांतलीं काळीं कुपां फुडें सरकतांच सुर्याच्या उजवाडान सगळो वाठार, प्रकाशमय जाता तेच परी तेजस्विनीच्या उतरांनी, सालांतल्या बायलांचे तकलेंतले वळवळटे किडे मरून पडले आनी खिणांत तांच्या तकल्यांनी घसघसीत उजवाड पडलो.

इतले म्हणसर आपलें हांसतें तोंड घेवन थंय गुरूजी आयलो. गुरूजीच्या आगमनान तेजस्विनीची मनकळी खिणांत उसवली. उजवाडांत उजवाड मिसळ्ळो. सालांतलें सांवट पयसावलें.

हें अशें विपरीतशें घडपाक कारण कितें आशिल्लें? व्हंकलपावणे वेळार न्हवऱ्याल्या घरांत कोण ना कोण आसूंक फाव आसलो. एक रत्नें आनी तारा सोडलीं जाल्यार आनी कोणूच नासलो घरांत, व्हंकलकारांक येवकार दिवपाक. ताकाच लागून उथळ माथ्यांक व्हांवपाक बांद उल्लो ना. निदान काशीबाय तरी आसूंक फाव आसली. तिच्या धाकान तरी गंभीरतायेचें वातावरण तयार जातलें आसलें.

नावाचें रत्नें आयज तरी खऱ्यानीच रत्न सोबलें. तें घरांतली वावराडी आसली तरी ताणें घरकान्नीचें सवंग बेस बरें वटयलें. मात्सो कळाव लागलो तरी व्हंकलपावणेंतल्या ल्हाना-व्हडांचो आदर-सत्कार आनी

रीतबात उत्तम रितीन केली ताणें.

समजीकायेच्या गुरूजीन गजेंद्राच्या इश्ट-मित्रांच्या आदारान, गजेंद्र-दुर्ग्याचें लग्न व्हडा दबाज्यान केलें. तरी गजेंद्र मात आपल्या लग्नाविशीं समादानी नासलो. आपणें मनांत रंगयल्लीं सपनां भंगलीं अशेंच ताका दिसतालें. ताच्या लग्नाक व्हडल्या-व्हडल्या मनशांची हाजेरी लागली. नेगोशियांत्य, भाटकार, ऑफिसर आनी कांय आमदार-मंत्र्यांचोय आस्पाव आशिल्लो लग्नाक आयिल्ल्या लोकांमदें. नाशिल्लीं तीं ताचे खोशयेंत वांटो घेवपी ताचीं लागसारचीं मनशां. ताका रावून रावून दुख्ख भोगतालें तें हेच गजालीचें.

करतां करतां आतां रातीचीं णव जालीं. सगळ्या बायलां-भुरग्यांनी आनी दादल्यांनीय बी न्हवऱ्यालें घर पळोवन घेतलें. गुरूजील्या दुर्ग्याक इतलें बरें घर फाव जालें म्हण ताका सगळ्यांनी परबीं दिलीं. व्हंकलेलें बिराड त्याच शारांत आशिल्ल्यान कोणाक घरा वचपाक धांवपळ करपाची गरज नासली. बायलांनी मिरय मिरय मिरयलें आनी आतां तांकां आपल्या घराची याद जाली. दादले सोडून बायलांनी व्हंकलेक वेंग मारपाक कोमेस केलें. व्हंकलेचीं कांय लागसारचीं सोयरीं सुकसुकूं लागलीं. व्हंकल-न्हवऱ्यान मात सगळ्यांक हांसत्या चेऱ्यान निरोप दिलो.

व्हंकल लग्न जावन न्हवऱ्यागेर वता त्या दिसा व्हंकले घरा दुख्खाचें सांवट पातळटा. न्हवऱ्यालें घर मात खोशयेन भरता. लागसारच्या सोयऱ्याधायऱ्यांनी आनी घरच्यांनी घर गजबजून वता. पूण आयज हांगा न्हवऱ्याल्या घरांत मात परतें जालें. व्हंकलेकारालीं मनशां एक एक करून गाडयांनी बसलीं आनी भूर्रर करून उडून गेल्ल्यावरीं गेलीं. घरांत उरलीं तीं रत्नें, तारा आनी मंगेश! मंगेश आनी तारा थोड्या वेळान वचपाच्या बेतान आशिल्लीं. मागीर उरतलें तें फक्त रत्नें. न्हवरे-व्हंकलेक घरांत आदार आशिल्लो तो फक्त रत्न्याचोच. गजेंद्राक खाशेलीं भाव-भयणां नासलीं म्हूण कितें जालें! काशीबाय तरी जीवंत आसली! तिणें मनांत हाडिल्लें जाल्यार गजेंद्राच्या जिवितांतली ही म्हत्वाची रात झगझगीत

आसुनूय उदासकायेन भरिल्ली दिसची नासली.

आपल्याक पावंक आयिल्लीं मनशां एकेक करून नाच्च जालीं तें पळोवन दुर्गें मात्शें दचकलें. आयज सांज मेरेन तें मनशांचे गर्देंत वावुरलें. आवय-बापायल्या घरांत फक्त चार मनशांच वावुरतालीं तरी रातीचीं धा मेरेन घर मनशांनी भरिल्ल्यावरी दिसतालें. घरांतलीं मनशां थोडींच तरी शेजाऱ्या पाजाऱ्यांनी घर दिसरात भरिल्लेंच आसतालें. ताका कारण आसलें दुर्ग्याल्या आवय-बापायचो सोबाव. घरांतलें शिक्षणीक वातावरण शारांतल्या विद्वानांक आकर्शून घेतालेंच! ते भायर अशिक्षीत-अर्दशिक्षीत लोकांचेंय येवप-वचप आसतालें गुरूजीच्या घरांत. दिव्याच्या उजवाडांत काळखांतलीं पिसोळीं धांवून येवचीं, तशीं गुरूजीच्या आनी तांच्या घरकान्नीच्या म्होवाळ उतरांक लागून मनशांचे पांय सहज वळटाले गुरूजीच्या दारावशीं.

गुरूजीचो निवास म्हळ्यार एक देवमंदिर. ह्या देवमंदिरांत कितलीय गर्दी जाली तरी शांतकायेक मरण नाशिल्लें. अवती-भोवती, शेजाऱ्यांपाजाऱ्यांल्या घरांत केदेंय व्हडलें वादळ उप्रासलें तरी ताची झळ, ताची बादा गुरूजीच्या घराब्याक लागनासली. गुरूजीच्या घराचीच थंडाय, भायल्या केद्याय व्हडल्या ताकतीच्या वाऱ्या-वादळाक थंडायताली. गुरूजीचे मठयेंतली थंडाय दुर्ग्याच्या रूपान गजेंद्राल्या झगझगत्या-लकलकत्या घरांत रिगली.

दुर्गें सरस्पतीच्या मंदिरांतल्यान एका लक्ष्मीपुत्रागेर, लक्ष्मीच्याच पावलांनी भितर सरलें. आनीक कोणूय जाल्यार विशाळ आनी भव्य बंगलो आपल्याक लाबला म्हूण खिणभर तरी भुरकुटून वतलें आशिल्लें. पूण दुर्ग्याचेर गजेंद्राल्या गिरेस्तकायेचो कसलोच परिणाम जालोना. दुर्गें आतां आपली गिरेस्तकाय गजेंद्राक मानतालें. पती हो आपलो देव. तोच आपलो राखणो. आपूण ताची अर्दांगिनी. ताच्या बऱ्या-वायटाची काळजी घेत फुडलें जिवीत घालोवपाची जापसालदारकी ते दिसा सावन पत्करिल्ली दुर्ग्यान.

घोव-बायलांचें भावी जीवन सुखान घालोवपाचें असल्यार, एकमेकाक व्हड मानुनूच फुडलें आयुश्य जगपाचें आसता ही शिकवण गुरूजीन आपले धुवेक दिल्ली. गुरूजीचो संवसार ह्या तत्वाचेरूच सुखान चलतालो. दुर्ग्यानूय आवय-बापायच्या पावलार पावल दवरून जिविताची फुडली वाट चलपाचो निश्चेव केलो.

आवय-बापायगेर आसतना सीता, शांता, गोधू, किशोरी बी लग्न जावन घोवागेर वतकीर तीं आमच्या गोंयांत तरी सीताबाय, शांताबाय, गोधूबाय, किशोरीबाय जातात. गुरूजीलें दुर्गेंय घोवागेर येनाफुडें दुर्गाबाय जालें. वयस्क शेजाऱ्यांलें दुर्गाबाय, घरांतल्या मानाय-कामेऱ्यांली व्हयनीबाय आनी काशीबायली सूनबाय आनी गजेंद्रालें कोण? गजेंद्र आपले बायलेक इश्टीण मानूंक लागलो आनी इश्ट-इश्टीणीक नांवानूच उलो मारपाची रीत घोळटा वयल्या समाजांत.

गजेंद्राचो बापूय आसतना ताच्या वयाच्या इश्टमित्रांचें येवप-वचप सारखें चालू आसतालें. राजकारण, समाजकारण, धर्मकारण आनी कसल्याच आकस्मीक विशयांचेर सतत उलोवप चलतालें तांच्या घरांत. तांच्या च्या-पाण्याची वेवस्ता करपाक एक खाशेली वावराडी नोमियार केल्ली नायकबाबान. घरांत इश्टांवांगडा नायकबाबालें दिस्कुसांव चलता आसतना, गजेंद्र आपल्या खास इश्टांवांगडा भोवंक वतालो. अशें आसलें तरी गजेंद्र पारपोळ मात केन्नाच नासलो. ताचें जिवीत शिस्तिचें आसलें. मंगेशा वांगडा नाटक-सिनेमा पळोवप ताका आवडटालें. तरी चडांत चड वेळ तो वाचनांत घालयतालो. ताच्या वाचनालयांत दुर्मीळ पुस्तकांचो आस्पाव आसलो. गजेंद्राच्या बापायक वाचनाचो नाद आसलो. वेळ मेळटा तेन्ना, बापूय-पूत ग्रंथालयांतल्या पुस्तकांचेर आदारीत वरांचीं वरां चर्चा करताले.

बापूय मेल्या उपरांत मात गजेंद्राल्या बंगल्याचो भूत बंगलो जालो. बंगल्यांत लोकांचें येवप-वचप खूबूच उणें जालें. काशीबायरूपी भुताचो वावर बंगल्यांत अणभवाक येवंक लागलो. बंगल्यांतलो हांसो घरधनया

वांगडा गेलो तो गेलोच. बंगल्याच्या मुखेल सालांत आनी कुडींत उदासकायेचें साम्राज्य पातळ्ळें.

कोणेंय कितेंय म्हणूं, मनीसजात आसता थंय दुख्ख चड तेंप उरना. मळब काळ्या कुपांनी कितलेंय व्यापलें जाल्यार सारो तेंप तशेंच उरना. केन्ना ना केन्ना काळीं कुपां पयसावन सुर्याचीं किरणां धर्तरेर येवन उजवाड आपलें जैत मिरयताच!

गजेंद्राल्या बंगल्यांतय तशेंच घडलें. दुर्ग्राचें पावल बंगल्यांत पडलें आनी फांतोड इल्ली इल्ली उडत वचून दीस उजवाडटा, तशी बंगल्यांतली उदासकाय पयस जावन भायर-भितर खुशालकाय केन्ना वावरूंक लागली, कोणाक पत्तो लागलोना.

ज्या घरांत लक्ष्मी आनी सरस्पती हाताक हात धरून आदारान आनी आदरान नंदता तें घर सदांच सुखी आसता. पूण अशें क्वचीत घडटा. जे सुवातेर लक्ष्मी आपलें अधिराज्य जमयता, थंय सरस्पत विट्टा. लक्ष्मीचे ताकती मुखार सरस्पतीचो घुस्मटमार जाता. एक मात खरें, ह्या दोनूय देवतांच्या झगड्यांत-तीं लागलीं तर जैत हें सरस्पतीचेंच जाता. सरस्पतीच्या सोसीकतायेच्या मुखार लक्ष्मी तिगाव धरूंकूच शकना.

दुर्गे घरांत येवचे आदीं काशीबायक लक्ष्मीचें फाटबळ आसलें. लक्ष्मीच्या नाड्यारूच काशीबाय नायक बंगल्याचेर राज्य करताली. पूण तें राज्य रामराज्य नासलें तर तें मदांदकायेचें राज्य आसलें. मदांदकायेच्या राज्यांत लक्ष्मी खेळटा, बागडटा, पूण सरस्पती मात उबगून थंयच्यान पयस आनी पयस पळटा.

दुर्गाबायली नायक बंगल्यावयली ही पयली सकाळ आसली. सगळ्यांची खोशयेची सकाळ. ही खोस मुजरत कोणें निर्माण करूंक नासली. ती दुर्गाबाय वांगडा सावळी जावन तिच्या फाटोफाट चलून आयिल्ली.

आवयल्या घरांत सक्काळीं उठपी दुर्ग्राक मोलादीक गादयेचे उबेन सकाळ केन्ना जाली कळ्ळीच ना. 'सकाळ जाली उठ बाय.' म्हूण

सांगपी मायेचो मनीस घरांत कोण ना, हाची जाणविकाय मात ताका जाल्या बगर रावलीना.

“व्हनीबाय, च्याव तयार आहा. तोंड धुवता न्हू?”

दुर्ग्यान केंसांशेंडको बांदीत, हांसत हयकारान मान हालयली.

“तूं रत्नें मगो!”

“हय बाय!”

“आनी कोण कोण आसात गो घरांत?”

“जेनू, कांतू आनी म्हयेश!”

“खंय आसात गो ते?”

“ते रातीचे घरा वयतात न्हू?”

“कसलीं कसलीं कामां करतात गो ते?”

“फुलझाडांक उदक घालपाचें, गाडयो धुवपाचें बी काम जेनू करता. बाजारांत वोसोन नुस्तें बी हाडपाचें काम कांतू करता. माळ्याचेंय काम तोच करता.”

“आनी महेश कोण?”

“म्हयेश ड्रायवोर.”

“दोन गाडयो आसात न्हय गो बंगल्यार?”

“पूण ड्रायवोर एकूच. बाबाक दोन ड्रायवोर जाये, पूण आई म्हुणटा एकूच पुरो. एक गाडी बाबा सोता चलयता न्हू? आई भायर सरता तेन्नाच म्हयेश चलयता.”

“आई ना तेन्ना घरांत रांदता कोण गो?” दुर्ग्यान उत्सुकतायेन प्रस्न केलो.

“आई आसतनाय हांवच रानतां.”

“आईक तुज्या हातचें आवडटा?”

“म्हाका चिकन-मटण करूंक कळटा. बाबाक आवडटा तें सगळें करूंक जाणा हांव. आनी आईले सुमानांतले चडशे दीस अनवाळे आसतात न्हू गे?”

“आतांय तूंच रांदतलें मगो?”

“तूं सांगता तशें करतलें हांव.” रत्नें शाणें. ताणें फाव तीच जाप दिली. इतलें म्हणसर एकेक करून सगळे चाकर आयले. दुर्ग्यान तांकां आफोवन हाडून एकेकट्याचें नांव आनी खुशालकाय विचारून घेतली.

“आयज हांव तुमकां सगळ्यांक म्हज्या हातची च्या पिवयतां.”

केद्याय व्हडल्या क्रुर जनावरा फाटीर मायेन हात भोंवडायलो जाल्यार तांकां मायेची परतफेड करीन दिसता. आनी हीं तर मनशां. चाकरांकडेन मायेन उलोवपी पयली बायलमनीस म्हणल्यार दुर्गाबाय थारली त्या बंगल्यार. आपणें दिल्ल्या उतराक पाळो दिवपाक, फाटलो-फुडलो विचार करिनासतना तें कामाक लागलें. ताणें पयलीं गजेंद्राक च्या दिली. मागीर हेरांक.

:७:

गजेंद्राच्या लग्नाक आता एक म्हयनो जालो. काशीबाय आपूण बरी नाशिल्ल्याचें निमित्त करून वसंतागेर गेल्ली. हे गजालीकूय आतां एका म्हयन्या परस चड दीस पासार जाल्ले. आवयन आपूण बरी नाशिल्ल्याचें निमित्त केलां, ही गजाल गजेंद्र बेस बरो जाणा आशिल्लो. काशीबायन कितलेंय नाटक केलें, तरी ती गजेंद्राची आवय आशिल्ली. आपल्या दुयेंसांचो लग्नाचेर परिणाम जावंचो न्हय म्हूण ती आपल्या मावसभावागेर गेल्ली. तिचीं हीं नाटकां गजेंद्राक खबर आशिल्लीं. लग्न बरे भशेन जावं दी. आपलो हुस्को करूं नाका. बरें दिसतकूच आपूण येतां म्हूण ती सांगुनूच गेल्ली. तिचो सोबाव लक्षांत घेवन गजेंद्रान तिका हाडूंक वचपाचो विचार केलो ना. गजेंद्रान आपूण जावन ही गजाल दुर्ग्याक सांगून दवरिल्ली. तरी दुर्ग्याचें संस्कारीत मन शांत रावंक शकलेंना. ताणें लग्नाच्या दुसऱ्या दिसाच गजेंद्राक प्रस्न केलो.

“गजेंद्र, तूं आईचे खबरेक केन्ना वतलो?”

“कसलीं पिशेपणां उलयता गो तूं!”

‘‘हातूंत पिशेपणां कसलीं, तुवेंच सांगलां म्हाका ती बरी ना म्हूण.’’

‘‘आनी हांवें तुका हेंय सांगलां कीं ती आपूण जावन येतली.’’ गजेंद्रान उबगून दुर्ग्याक जाप दिली.

‘‘तिणें सांगलें आनी तुवें आयकलें. तुमचे मदें कितें उलोवप जालां तें तिसऱ्याक कशें कळटलें?’’ दुर्गें समजिकायेन उलयलें.

‘‘खरें गो तुगेलें. पट्टा तें म्हाका. पूण हांव तरी कितें करूं? ती वसंतमामागेर सोडून आनी खंयीं गेल्ली जाल्यार हांव तिका जबरदस्तीन हाडटलों आशिल्लों. वसंतमामागेर म्हजें येवप-वचप नाशिल्लें. आतां आनी तर ताचो आख्खो घराबो साप्प दुस्मान जाला म्हजो. आतां तूंच सांग, कशें तोंड दाखोवं हांव तांकां. म्हजो कसलोच गुन्यांव नासतना कित्याक म्हूण जावं हांव खालती? ना, म्हाका फोर्स करूं नाका तूं तांगेर वचूंक.’’

दुर्ग्याक गजेंद्राचें म्हणणे पटलें. ताची आवय चुकल्या. आवयचे चुकीचें प्रायश्चीत पुतान कित्याक घेवचें? घडिल्ल्या चुकांक भोगसणें आसूं येता. पूण मुजरत केल्ल्या वायट कर्तुबांची फाटराखण करपी मूर्ख थारता.

गजेंद्रान आपल्या आवयच्या सोबावाची पुराय कल्पना दुर्ग्याक दिल्ली. ताका लागून गजेंद्राच्या वागपांत मात्तूय अतिताय घडना हाची जाणविकाय दुर्ग्याक आसा. लोकांकूय गजेंद्र आनी काशीबायच्या सभावाची पुराय कल्पना आशिल्ली. न्हवऱ्यावटेनचो लोक लग्नाक हाजीर नाशिल्लो, हाची चर्चाय लोकांमदें चलताली. तरी तो दुर्ग्याच्या दिश्टीन प्रस्न वेगळो आशिल्लो. आवय-पुतामदें कितें घडलां, तें आपल्याक कांयच खबर ना अशें तें शेजाऱ्यां-पाजाऱ्यांक आनी सोयऱ्यां-धायऱ्यांक दाखोवंक सोदतालें. सासूमांयकूय तें आपल्या निर्मळ मनाचें दर्शन घडोवंक सोदतालें. हेत हो की फाटीं कितें घडलें तें घडलें, ह्या फुडें तरी ह्या घरांत उजवाडाचीं नवीं किरणां फांकचीं. आपूण एक सुसंस्कृत आवय-बापायची धूव. गजेंद्रान आपली घरकान्न म्हूण केल्ली निवड ताका फाव

तशीच आसा, अशें लोकांच्या तोंडांतल्यान सहजतायेन भायर पडचें, अशी दुर्ग्राची इत्सा आसली. ताणें ती इत्सा गजेंद्राक उलोवन दाखयनासतना कृतीन दाखोवपाचें थारायलें.

"गजेंद्र हांव कितें म्हणटां!"

"उलय गो."

"आमी महेशाक गाडी घेवन धाडुया."

"खंय?"

"आईक हाडूंक."

"नाका."

"तूं मदें पडूं नाका रे. तुका कळनासतना हांवें धाडला म्हूण सांगूं दी महेशाक."

"नाका. व्हडलो इश्यू करतली ती हे गजालीचो. लग्न जालां म्हणटली काल-पयर, आनी घोवाक जुमानी नासतना बायल मनमानी करूंक लागली म्हणना जाल्यार ती आईच न्हय." गजेंद्रान काशीबायच्या मनांतलें उलोवन दाखयलें. पूण दुर्गें थोडेंच गप्प बसपी! आनी कोणूय जाल्यार म्हणटलें आसलें, 'कर बाबा तुका जाय तें. आवय तुजी. तुमच्या मदीं हांव कित्याक पडूं?' पूण दुर्गें तसल्यांतलें नासलें. आपूण बरें आनी घोव बरो. बाकीचीं सगळीं मारलीं झक. देवान दिल्लें खूब आसा. राजा-राणयेचो संवसार करून मारूया मजा म्हणप्यांतलें दुर्गें नाशिल्लें. आपली जापसालदारकी वळखून वागपाचे धडे, भुरगेपणा सावन दिल्ले ताच्या आवय-बापायन. फक्त घोव आनी भुरगे-बाळांचो विचार करप म्हणल्यार संवसार करप न्हय. वडीलधाऱ्यांक आपलीं मानून तांची सेवा करप ही सनातन धर्माची रीत ताच्या मनार बिंबयल्ली. ताणें गजेंद्राक परत जागयलो.

"आरे गजेंद्र, आई कशीय वागली म्हूण आमी तिचेकडे आडनदर करून जावचें ना रे." दुर्ग्रान चिंता उक्तायली.

"मागीर कितें म्हणटा तूं?"

“आतां हांव कितें सांगूं तुका? तुजें दुख्ख आनी अडचण कळटा म्हाका. पूण म्हजींय सून म्हणून कांय कर्तव्यां आसात न्हय रे? बरी ना म्हूण परक्यांगेर वचून राविल्ले सासूमांयची सून खबर घेना तें कळतकूच कोणूय कितें म्हणतीत?”

“बरें आसा. हांव अशें करतां, महेशाक गाडी दिवन धाडटां आनी आईक आसा तशी घेवन यो म्हणटां.”

“तें बरें जातलें. हांव समजायतां रे तिका मागीर!” गजेंद्रालो नेट पळोवन दुर्गे खोशेलें.

दुसरे दिसा महेश गाडी घेवन कुंभारजुव्यां गेलो. ह्या आदींय तो काशीबायक घेवन केन्ना केन्नाय वतालो वसंतागेर. काशीबायलो ड्रायव्हर म्हणून ताची खास अशी विचारपूस जाताली. च्या-पाण्याची बरी वेवस्ता जाताली. हे पावट मात वसंताल्या घरच्यांचीं तोंडां काळींकिट्ट पडिल्लीं. काशीबाय खरेलीच दुयेंसकान्न दिसताली. ती पिरंगत-पिरंगत महेशाकडे उलयली. तिका दिसतालें सट्ट करून तशीच गाडयेंत बसची आनी घरा येवची. पूण ते हट्टी सोबावाचे बायलेक जमलें ना. तिणें महेशाक परत धाडलो. आपूण आनी आठ दीस रावतां आनी येतां म्हणपाचो रकाद तिणें आपल्या पुताक दिलो.

कांय मनशां पक्की वेव्हारी आसतात. तोंडार सतत खोटें हाशें हाडून, गोड गोड उलोवन, आपूण तुमचोच अशें भासोवन आपल्याक जाय तें मेळोवपाची कला तांचेकडे आसता. आपलें काम सादना शें दिसल्यार मनशांक पयस करपाचें काम खंयच्याय वक्तार करूंक शकतात. वसंत आनी ताच्या घरांतलीं हेर मनशांय अशाच प्रकारांतलीं आशिल्लीं.

खरें म्हळ्यार वसंताल्या मनशांक काशीबाय तांगेर आयिल्ली नाकाच आशिल्ली. काशीबायक लागून वसंताक लुकसाणी नाशिल्ली. ती आपूण जावन तांचेकडे लेमसेताली. खोशी करपाक पदरमोडूय करताली. वसंताले धुवेक सून करून घेवपाचें आमीश तिणें हालींच्या तेंपार दाखयल्लें. तांची चड दाटी जावपाक हेंच म्हत्वाचें कारण

आशिल्लें. गजेंद्राचें लग्न आतां दुसरेच चलयेकडेन जाल्ल्यान काशीबायक वसंतालें घर आतां सासणाचें पयस जाल्लें. गजेंद्राच्या लग्नादिसा वसंताल्या घरांत काळोख दाटून आशिल्लो, ते उपरांत कितलेशेच दीस थंय उजवाडाचीं किरणां कोणाक अणभवूंक मेळनासलीं. तरी निर्लज्ज काशीबाय त्या काळखांत बुडून आशिल्ली. कित्याक? तर फक्त आपल्या पुताक दुख्ख दिवंक, लिसांव शिकोवंक.

गाडी रिकामी आयली ती पळोवन गजेंद्राक कांयच दिसलें ना. ताचे अपेक्षे प्रमाणच घडिल्लें तें. दुखेस्त जालें तें दुर्गे ! पूण ताका आतां कांयच उपाय नासलो. प्रयेत्न केल्ल्याचें समादान मात मेळ्ळें.

दुर्ग्यान आतां चिंतलें, आई आयज ना फाल्यां येतलीच. सद्या तरी राज्य आपलेंच आसा. मेळटा त्या दिसांचो सदुपेग करून घेवया. येतकूच आईक आवडूं वा ना आवडूं, आंगांत आशिल्ल्या बऱ्या गुणांची निशाणी दाखोवन दिवपाची संद मेळटा ती वगडावंक उपकारचीना. खूबश्या लोकांचो समज आसता की मनीस शाळा-कॉलेजांनी वचून जें शिक्षण घेतात तें चाकरी करून पोट भरूंक. पूण गुरूजीन दुर्ग्याक बी.ए.बी.एड मेरेन शिक्षण दिल्लें तें फक्त पोट भरूंक न्हय, तर समाजांत मनीसपणान वागूंक. सर्विसेची गरज आसल्यार आनी फाव ती मेळ्ळ्यार ती करचीच, पूण ना मेळ्ळी तर घेतिल्ल्या शिक्षणाचो उपेग स्वताच्या आनी हेरांच्या संवसाराचेर उजवाड घालपा खातीर जावंचो.

गुरूजीचे हे विचार दुर्ग्याच्या मनांत खोलायेन रिगिल्ले. दुर्ग्याच्या नशिबान आतां चाकरेची गरज नाशिल्ली. ताका लागून घेतिल्ल्या शिक्षणाचो सदुपेग करपाची आयतीच संद ताका देवान दिल्ली.

आनी कोणूय जाल्यार आपल्याक घोव गिरेस्त गावला म्हूण झेत मारतलें आशिल्लें. आतांचीं भुरगीं घरांत वळवळे काडटात आनी भायर पोके झेत मारतात. ताकाच लागून आमच्या देशाची अर्दी शक्त फुकट वता हाची जाणविकाय मात कोणाक जायना. पूण दुर्ग्याक ती जाल्ली.

दुर्ग्यान सगळ्यांत आदीं घरांतल्या वावराड्यांक आपलींशीं करून

घेतलीं. वावराडी म्हणल्यार घरांत सगळ्या तरेचीं कामां करपी. तातूंत ड्रायव्हराचोय आस्पाव आयलो.

मागीर ताणें शेजाऱ्यापाजाऱ्यांची बारकायेन वळख करून घेतली. ताका मानसशास्त्र आनी तर्कशास्त्राचें पुस्तकी गिन्यान आशिल्लेंच. ताच्या आदारान, सामकाराक आयिल्ल्या मनशाची पारखणी बारीकसाणीन करतालें दुर्गे. ताका लागून खंयच्या मनशांक लागीं करपाचीं आनी कोणाकडे सांबाळून वागपाचें हाची बारीकसाण आशिल्ली ताच्या पदराक.

दुर्ग्यान अर्विल्ल्या शिक्षणाच्यो पदव्यो घोतिल्ल्यो, तरी ताका भारतीय संस्कृतायेची ओड आशिल्ली. ताका दिसलें हें घर पयलीं सासूमांयचें आनी मागीर आपलें. हिन्दू धर्माचे बसकेर घर सजोवन ताका चालंत साच्यांत बसोवचें, मध्यम मार्ग स्वीकारचो आनी ते दिकेन ताणें काम करपाचो निश्चेव केलो.

आपल्या घराब्याचो, घराब्यांतल्या ल्हान-व्हडांचो, आपल्या कुळाचो, घराब्याकडे संबंद आशिल्ल्या सोयऱ्याधायऱ्यांचो, सगळे तरेच्या धाग्यादोऱ्यांचो विचार करपी अस्तुरेक 'कुलीन स्त्री' म्हणटात. ही कुलीन स्त्री जितली सक्षम आसता, त्या प्रमाणांत तो घराबो परजळटा. आयज गोंयांत जे व्हडले-व्हडले घराबे नावलोकीकाक पाविल्ले दिसतात, तांच्या फाटल्यान घराब्यांतल्या जावन गेल्ल्या दादल्यांहून बायलांचो त्याग व्हड आसा. ह्या बायलांच्या त्यागांतल्यानूच गोंयचें नांव व्हड जालां.

कुलवंतीणीची नदर सगळ्यांत पयलीं घरांतल्या देवाऱ्याचेर पडटा. नायक बंगल्यार प्रवेश करिनाफुडें दुर्ग्याचीं पावलां मंदगतीन देवाऱ्याकडे वळ्ळीं. मुखेल सुवातेर दामबाबाचें व्हडलें पांयजेल दुर्ग्याक दिसलें. ह्या पांयजेलाच्या दोनीवटयां व्हडल्या माल्यांचे लामणदिवे कशेय भशेन झेमत-झेमत जळटाले. दुर्ग्यान वगत लायनासतना माल्यांतल्यो वाती फुडें सरकायल्यो. जीव नाशिल्ल्यो वाती खिणांत हांसल्यो. तांच्या

हांस्याच्या उजवाडान, दामबाबाच्या दोनूय कुशींनी बशिल्ल्या सगल्या देवांच्या तोंडांचेर उजवाड पडून ते जागे जाल्ल्याचो भास दुर्ग्याक जालो.

दुर्गे आवयल्या घरा आसतना बेकार केन्नाच बसलें ना. शिवण-सूत ना तर कसल्या ना कसल्या कामांत गुंतून रावपाची संवयूच जाल्ली ताका. पाककलेंत तर तें प्रवीण आशिल्लेंच. आंगांत कलागूण आशिल्ली बायलमनीस सोबेची बावली जावन केन्नाच एके सुवातेर बसूंक शकना. आतांच लग्न जाल्ल्या कारणान आनी घरांत भरपूर एकांत आशिल्ल्या कारणान गजेंद्र ताच्या फाटल्या-फुडल्यान एक सारको पासयो मारतालो. दुर्ग्याचो गजेंद्राचेर मोग खूब आशिल्लो. पूण हे भशेन ताणें पासयो मारून ताका आडावन दवरप साप्प मानवनासलें दुर्ग्याक.

दोन-तीन दीस अशेच गेल्या उपरांत दुर्ग्याच्यान कशेंच रावंक जायना जालें. ताणें गजेंद्राक आपल्या वांगडा घरच्या कामांत गुंतून दवरचेली माण्णी केली. नीत्य नेमान घरांतल्या देवाची पुजा घडची अशें ताका दिसूंक लागलें. ताणें सातां पयलीं रत्न्या कडच्यान उदक तापोवन घेतलें. गजेंद्राक उसरां मेरेन हातरूणार लोळून रावचेली संवय आसली. बापाय फाटल्यान देवाची पुजा तोच करतालो. पूण ताका ताळतंत्र कांयच नासलें. मनांत येता तेन्ना, बेशिस्तीन सदचीं कामां चलतालीं गजेंद्रालीं. आतां मात दुर्ग्याच्या आदेशान सगळें ज्युस्ता ज्युस्त चालीक लागलें.

देवाऱ्यांत गोंयचे आनी गोंयां भायले मेळून शेंकड्यांनीं देव हाडून बसयल्ले काशीबायन. दुर्ग्याक दिसलें, ह्या देवांची गर्दी काडून, दामबाबाक आनी ताच्या सांगाताक एक-दोन शक्तिमान देवांक दवरचे देवाऱ्यांत. पूण हें सगळें आई येतकूच तिचे मर्जेनूच घडूंक जाय. मात ताका देवारो तेलान पचपचीत आनी बुळबुळीत जाल्लो मानवलो ना. ताणें रत्न्याक आपोवन थंयच्या थंयच आदेश दिलो-

"बाय रत्न्या, लामणदिव्यांनी तेल तूंच घालता मगो?"

"हय व्हयनीबाय!"

"सांबाळून घालचें गो. सगळी जमीन तेलान भिजल्या पळे कशी

ती!''

''हांव सांबाळूनच घालतालें तेल व्हयनीबाय. केन्नाच चुकोन एक-दोन थेंबे पडले जाल्यार रोखडेंच पुसून काडटालें. पूण आईनूच सांगलें म्हाका, मालीं तेलान उप्पाट भरूं जायीं म्होणोन.''

''कितें सांगता गो तूं?''

''हय व्हयनीबाय, खऱ्यानीच सांगतां हांव. ह्या दामबाबाच्यान तर! फट उलयल्यार जीब झोडों म्हाजी!''

''पुरो-पुरो, चड उलोवपाची गरज ना.'' दुर्ग्यान रत्न्याक फुडें उलोवंक दिलें ना. तरी रत्न्याची जीब ती, ओगी कशी रावत? वुळवुळ्ळीच-

''व्हयनीबाय, जमनी वयलें तेल पुसून काडल्यार पयलीं आई कांयच म्हणनासली. कोल्हापुराक वोसोन येयली न्हू? तेन्नाच्यान ती बदल्ल्या.''

''बदल्ल्या म्हळ्यार कितें जाल्या गो बाये?'' दुर्ग्यान उत्सुकतायेन प्रस्न केलो.

''दिव्याचीं मालीं ओतसर भरूंक लागल्या. कोल्हापुरांतल्या अंबाबाईच्या देवळांत खंय सगळेकडे तेलूच तेल माखलेलें आसता. असली तेलमाखणी खंय ते देवतेक खूब मानवता. तेकाच लागोन, दामबाबाकूय बरें दिसतलें अशी तिगेली समजीकाय जावन पडल्या. तेकाच लागोन ती तेल व्हारयता.''

आतां मात दुर्गे चडूच शादूर जालें. ताणें देवाऱ्यांत बदल घडोवन हाडपाचो विचार सोडून दिलो. जे गजालींक काशीबाय आडमेळें हाडपाची शक्यताय उणी, तांची एक ताणें येवजण केली. हे येवजणेक काशीबायन मान्यताय दिलीना तर ती फाटी घेवपाची तयारीय ताणें दवरली.

दुर्ग्याचे तकलेंतले येवजणे प्रमाण, बंगल्या भोंवतणी एक सुंदरशी फुलबाग तयार करपाची थारायली. हे फुलबागेक पळोवन सदांकाल लोकांचीं मनां ताजीं तरतरीत उरचीं, अशें दुर्ग्याक दिसतालें.

तशें पळोवंक गेल्यार बंगल्या भोंवतणीं खूब तरेचीं फुलां, चडशीं

वाजांनी लायिल्लीं माळ्यान. ह्या फुलझाडांचो संबंद येतालो तो फक्त वाजांतल्या शेंकऱ्या-मातयेकडे. तांच्या मुळांचो संबंद जमनीकडे येना जाल्ल्यान, तीं भियेत-भियेत जगतालीं. निर्भयतायेन जगपाची मजा चाखूंक त्या फुलझाडांक मेळनासली. दुसरी गजाल अशी की त्या नकली फुलांचेर विखारी वखदांचो शिताडो मारिल्ल्यान एक लेगीत सुकणें फिरकनासलें ते बागेंत!

दुर्ग्यान माळ्याक आपल्या म्हऱ्यांत बसोवन आपली येवजण समजायली. हे नवे येवजणे प्रमाण, वाजांतलीं फुलझाडां तशींच उरतलीं, पूण धर्तरेकडे नातें जोडपी नव्या दणकट फुलझाडांची येवजण केल्ली. तातूंत दसण, पारजत, चमेली, रातराणी, चांफे तेचपरी शेंवतीं-आबोलीं, जाया-जुयांचें एकेक तरी झाड बंगल्या भोंवतणीं आसचें. हेत हो की सगळ्या तरेच्या फुलझाडांनीं बंगल्यांत परमळ भरचो. पांचव्या पांचव्या पानांच्या आनी उंच उंच शेंड्यांच्या आकर्शणान बंगल्या भोंवतणी कीर-सारोळ्यो आनी हेर सानसान सुकण्यांची सदांच जात्रा भरची. हे जात्रेंत सगळ्या तरेच्या सुकण्यांनी गायना करचीं, आनी शारांतल्या सिमेंट-कॉंक्रीटाच्या फ्लॅटांमदीं गजेंद्रालो बंगलो शुक्रताऱ्या भशेन सोबून दिसचो.

दुर्ग्याले हे येवजणेक आडमेळें घालपाक काशीबाय बी उबी रावचीना मू?

:८:

सुसंस्कृत आनी बऱ्या मनाच्या मनशाकडच्यान वायट कर्तुबां घडपाची शक्यताय उणी आसता. कोणाचेंय वायट करपाक फुडें सरल्यार लेगीत बऱ्या मनशाच्या हातांतल्यान बऱ्योच गजाली, बऱ्योच करण्यो घडटात. कारण दुसऱ्याचें बरें करप ही बऱ्या मनशाची सहजप्रवृत्ती जावन पडटा.

गजेंद्र-दुर्ग्याचें लग्न जावन आतां एकेक दीस फाटीं पडत आसलो. दीस जशे जशे फाटीं पडटाले, तशें तशें दुर्ग्याचें मन आपल्या नव्या

संवसारांत रमत आसलें. नव्या उर्बांच्या नेटान मनांत नवीं सपनां रंगयतालें दुर्गें.

दुर्ग्याची आवय एक सुशिक्षीत आर्यीण आसली. भारतीय आर्यींणीचो एक खाशेलो असो धर्म आसता. हो धर्म तिका परंपरेन अनादी काळापासून मेळिल्लो आसता. जी आर्यींण आपल्याक वारसहक्कान मेळिल्ल्या धर्माकडे दुर्लक्ष करता, धर्मभ्रश्ट जाता, धर्मा पसून पयस-पयस वता, ती आर्यींण उरना तर ती शुद्रीण जाता आनी खंयचेंय राष्ट्र जावं वो समाज आपल्या उत्कर्शाची, दिव्यतायेची, भव्यतायेची आनी सभ्यतायेची अपेक्षा शुद्रीणी कडच्यान करूंक शकना.

'आर्यींण' आनी 'शुद्रीण' ह्या दोनूय उतरांचो संबंद खंयच्याच जाती-धर्माकडे आसना. तेच परी एकाद्री अस्तुरी खूब शिकून पदवीधारीणी ज़ाली म्हूण ती आर्यींण जाली अशें कोणे समजुचें न्हय. आदीं आशिल्ली शुद्रीण प्रयत्नान आर्यींण जावंक शकता.

दुर्ग्याची आवय खऱ्या अर्थान आर्यींण आशिल्ली. आपलो पती, ताचो घराबो आनी ताच्या संबंदांत आशिल्ले सगळ्या तरांचे सोयरेधायरे आपलेशे करून तांचो मान-सन्मान करपांतच ती आपलें सूख मानताली. कितलेय कश्ट सोंसून आपल्या घराब्याक सुखी दवरप, आपलो घराबो सुखी उरल्यार ताचे देखीन आख्खो समाज सुखी जाता आनी समाज सुखी जाल्यार राष्ट्र सुखी, ही शिकवण घेवन फुडें आयिल्ली दुर्ग्याची आवय. दुर्ग्याकूय दिसतालें, आपले आवयचो वारसो आपणें फुडें चलोवंचो.

आपली सासूमांय घरांत ना हें दुर्ग्याच्या पथ्थ्यार पडलें. ताणें सगळ्यांत पयलीं घरांतल्या नोकर-चाकरांचीं मनां जिकून घेतलीं. उपरांत शेजाऱ्यापाजाऱ्यांक आपलींशीं करून घेतलीं. तशें पळोवंक गेल्यार काशीबाय शेजाऱ्यांक वायट नासली. मात ती शेजाऱ्यांक आपल्याकडे आकर्शीत करून घेवपाक, हात उखलून कितें ना कितेंय दिताली. दुर्ग्याक तशें करपाची इल्लीय गरज पडली ना. ताच्या तोंडांतल्यान एकसारखें

म्होंव गळटालें. म्होंवाक लागून मूस जशे धांवून येतात, तशीं दुर्ग्याच्या म्होंवाळ उतरांक लागून वायट-बरीं मनशां ताचे लागीं आपसूक धांवून येतालीं.

घोवाक-गजेंद्राक-तर ताणें चार दिसां भितर आपलो परम-इश्ट करून सोडिल्लो. दुर्ग्यान तोंडांतल्यान उतर भायर घालचें आनी गजेंद्रान तें धुल्लाक भेटोवचें, अशें कशेंच घडनासलें. दुर्गें तोंड उगडचे पयलीं आपलें उतर बुद्दीचे साणीर घासून-पुसून, मनांतले तागडेर तोलून-मापूनच भायर घालतालें. उकलापीं उतरां वाऱ्यार कापूस हुबता तशीं हुबून खंयचे खंय नाच जातात. फरक इतलोच की कापूस हुबतना दिसता. पूण उतरां मात हवेंत केन्ना आनी कशीं विरगळून वतात हाचो पत्तो कोणाक कसोच लागना. पेजाद आनी मोलादीक उतरां मात आयकुप्यांच्या मनपटार छापून उरतात. दुर्ग्याच्या तोंडांतल्यान भायर पडिल्लीं उतरां अशींच पेजाद आनी मोलादीक आसतालीं. तांचेकडे आडनदर करपाची छाती कोणाकूच जायनासली. ताचेकडे गोडयेन आनी नमळायेन वागपांतच घरच्या आनी सरभोंवतणच्या लोकांचें हीत आसा, हाची जाणविकाय सगळ्यांक आसली.

दुर्ग्यान आतां संबंदीत लोकांचो अदमास घेतलो. तांचेकडे जमोवन घेवपाक ताका आतां व्हडलेंशें कठीण नासलें. आतां ताच्या सामकारा व्हडलो प्रस्न आसलो तो ताचे सासुमांयचो. सासुमांयेविशींच्यो खूबशो गजाली ताणें लोकांकडल्यान आयकल्ल्यो. सगळ्यो सासुमांयो वायट नासतात, हेंय तें आयकून जाणां आसलें. आपली सासुमांय तर आपल्या पुताकूच वळखना, ही गजाल दुर्ग्याक गजेंद्रान आदींच सांगून दवरिल्ली. आपल्या पुताच्या लग्नाचेर बहिश्कार घालपी काशीबाय कशी आसतली, हाचें चित्र दुर्गें निश्चीत करूंक शकनासलें. भरींत भर म्हूण घरच्यांनी आनी शेजाऱ्यांनीय काशीबायविशीं कितेंय बरें उलयल्लें दुर्ग्याच्या कानार पडलें ना. तरीय लोक उलयतात आनी सांगतात म्हूण दुर्गें खरें मानप्यांतलें नाशिल्लें. कसलोय कावज घडल्या उपरांत, खरें-खोटें कितें हाची तें

पयलीं पारखण करतालें आनी मागीर आपलें मत थारायतालें. आपली सासुमांय घरा केन्ना येतली आनी तिच्या सोबावगुणाचो अणभव केन्ना घेतलें, त्या दिसाची वाट दुर्गे दोळ्यांत तेल घालून पळेतालें. तो दीस आतां पाविल्लो.

काशीबायची टॅक्शी बंगल्यामुखार थांबली आनी सगळ्यांकूच अजाप जालें. घरा येवपाच्या वक्तार ती ड्रायव्हराक आपोवन घेतली, अशें गजेंद्र सोडून सगळ्यांक दिसतालें. खयीं चड दीस रावंक गेल्यार ड्रायव्हर तिका सोडून येतालो. तिच्या मनांत घरा येवपाचें जातकूच ती ड्रायव्हराक रकाद धाडून आपोवन घेताली. पूण केन्ना केन्नाय तिका घरच्यांक लिपोवन, देवळां ना तर इश्टीणीलीं घरां हेडत येवपाची कूय मारताली. तेन्ना मात ती टॅक्शी करून घरा येवंक भायर सरताली. घरा येवन सगळ्यांक चकीत करपाक तिका चड खोस भोगताली. आयजूय तिणें तशेंच केल्लें.

काशीबाय आयली खरी, पूण सदांभशेन तिका शेजाऱ्यांकडच्यान हुनहुनीत येवकार मेळ्ळोना. चड दिसांनी घरा येतकूच जणेकल्या शेजाऱ्याक याद करून ती कितें ना कितें हाडटालीच. आयजूय तिणें हाडलां जातलें. पूण शेजाऱ्यांलीं शेळेल्लीं तोंडां पळोवन काशीबायलें तोंड बावलें. ती निर्शेली. तिका दिसलें हो आपले सुनेचो पांयगूण जावंक जाय.

काशीबायचेर आतां सगळ्यांत पयली नदर पडली ती दुर्ग्याची.

काशीबायचो तो येवपाचो वेळूच असो आसलो की घरांतलीं सगळीं कामवालीं कसल्या ना कसल्या कामांत गुंतून आसलीं. काशीबाय येवपाची आसा, अशी घरच्यांक खबर आशिल्ली तर मात तिचे वाटेकडे नदर लावन कोण ना कोण बसतलोच आसलो. रत्न्याक तर सुशेगूच आसचो नासलो.

सामान गेटीकडे उतरोवन टॅक्शी गेली. खर वोतांत काशीबाय उबी आनी लागसाराक कोण ना तें पळोवन दुर्गे स्वता काशीबायच्या म्हऱ्यांत

गेलें. तें तिका पायें पडलें. दोनूय हातांत पिशव्यो घेवन तें चालीक लागतलें, इतक्यांत काशीबाय धेंगशेली–

‘‘दवर त्यो पिशव्यो थंय. घरांत वावराड्यो उण्यो आसात म्हूण तुका हाडलां दिसता पुतान म्हज्या. भिकेचीं लक्षणां हीं.’’

काशीबायच्या तोंडांतल्यान त्रासीक उतरां भायर पडलीं.

दुर्ग्यान पिशव्यो अचळय धर्तरेर दवरल्यो. काशीबाय हेवटेन–तेवटेन पळेनासतना, धेंपार धेंप मारून बंगल्याची इस्काद चडून वयर गेली. ताणशेवन तिणें रत्न्याक उलो मारलो. शांत आशिल्लो दर्यो तुफान येतकूच खवदळटा तशें जालें. काशीबायचो आवाज इतलो खर आशिल्लो की तो आयकून बंगल्यावेले सगळे कामवाले, खिणांत एकठांय जाले. ते अजापीत नुरेन काशीबायकडे खीणभर पळेत रावले. हातांतल्या लेसान तोंड पुसतां–पुसतांच काशीबाय धेंगसली–

‘‘आतां तें दरवट्याकडचें सामान कोण तरी वचून हाडटात काय....’’

काशीबायचो अवतार पळोवन सगळ्यांनी एकदम दवरट्याकडे धांव मारली.

काशीबाय आतां दोन ताणशानीच अर्दमेली जाल्ली. तिच्यान थंय आनी खीणभर लेगीत उबी रावप जमलेंना. लकत–लकत ती आपले कुडीवटेन गेली.

दुर्गें काशीबायचो तमासो पळेत रावलें. ताका तो अपेक्षेप्रमाणूच आसलो. मात ‘घरांत वावराड्यो उण्यो आसात म्हूण...’ हें तिच्या तोंडांतल्यान भायर पडिल्लें वाक्य, दुर्ग्याल्या ताटांत फुडें कितें वाडून दवरलां. तें सुचोवन गेलें. काशीबायल्या उलोवण्याचो अर्थ ना समजपा इतलें दुर्गें पिशें नासलें. आनी कोणूय जाल्यार तेन्नाच फुगडो करून बसतलें आसलें. पूण आपलो हांसतो चेरो घेवन तें झडझडीत सासुमांयच्या फाटल्यान धांवलें, थकून भागून आयिल्ले आपले सासुमांयक कितें जाय–नाका हाची वात्सपूस्त करूंक!

मनशाच्या हातांत सत्ता येतकूच तिचो दुरूपेग जावंचो न्हय, अशी ईश्वराची इत्सा आसता. मात सत्ता बऱ्या आनी न्यायी मनशाच्या हातांत सोंपोवप हें ईश्वराच्या हातांत नासता. तशें आसलें जाल्यार ह्या जगांत दुख्खाक खंयच थारो नासतलो आसलो. अशें आसलें तरी खूबदां ती चुकून जावं मागीर बऱ्या मनाच्या मनशाच्या वाट्याक येता. आनी ताका लागुनूच हो संवसार आयज लेगीत तिगून आसा.

'शिकिल्ल्यांनी संवसाराचेर कितें उजवाड घाला?' असलें उलोवप खूबदां आयकूंक येता. खरें म्हळ्यार समाज आनी देशाक लुकसाण करपी मनीस खऱ्या अर्थान शिकिल्ले नासतातूच. शाळा-कॉलेजांनी पोपटपंची करून पदव्यो घेवपी खोटांनी मेळटात, पूण आपल्या शिक्षणाचो उपेग आपलो घराबो, समाज आनी देशाक जावंचो म्हण, दुर्ग्यासारखीं थोडींच मनशां दीस आनी रात जागृतायेन रावतात. तांकां आपल्या मेरांची जाणविकाय आसता.

दुर्ग्याच्या पदराक शिक्षण आशिल्लें. सपनांत लेगीत केन्ना पळोवंक नाशिल्ले गिरेस्तकायेची तें आतां धनीण जाल्लें. घोव ताचे मुठींत आसलो. घरांतलीं आनी घरा भायलींय मनशां ताणें आपलींशीं केल्लीं. ताणें मनांत हाडिल्लें जाल्यार काशीबायक तें केन्नाय खोल्ले करूंक शकतालें. तिचो मद जिरोवंक शकतालें. पूण ताणें तशें केलें ना. कारण कितेंय जालें तरी ती ताच्या घोवाची आवय आशिल्ली. आनी घोवाल्या नात्यांतल्या कोणाय मनशाचो अपमान जालो तर, तो घोवाचो अपमान थारता हाची पुराय जाणविकाय दुर्ग्याक आशिल्ली. तेन्ना दुर्ग्यान थारायलें, ह्या फुडें घरांत शांतकाय तिगोवन धरपाक काशीबायच्या मुखार नमतें घेवपांतूच शाणेपण आसा. कुल्लेचीं दांगटां कुल्लेच्याच हड्ड्यार घालपाचें चिंतून फुडलें पावल घालपाचो ताणें निश्चेव केलो.

एखाद्रो घराबो नावाजतो जातलो जाल्यार, त्या घराब्यांतले चडांत चड वांगडी बरे गुणसंपन्न आसचे पडटात. आता कोणूय म्हणटलो, बऱ्या गुणाची परिभाशा कितें? जणेकल्या मनशाक आपूण बऱ्या गुणांचो

पुतळो दिसता. एखाद्र्या गांवांत वो शारांत एक मनीस लोकांक नाडून, लोकांक लुकसाण करून व्हडलो गिरेस्त जाला, हाची जाणविकाय ताका आसता. दुडवांनी गिरेस्त जातलो जाल्यार नाडपण हो उत्तम गूण अशें ताका दिसता. खुनमारो, चोरूय आपल्यांतल्या वायट गुणांक बरोच लेखता. पूण खंयचोच धर्म आनी साधु-संत असल्या पाड्या गुणांक मान्यताय दिनात. कश्ट आनी उत्तम वेव्हार करून जोडिल्लें धन हें पवित्र आनी हिताचें आसता अशेंच सज्जन आयज मेरेन मानीत आयल्यात. ज्या घराब्यांतले चडांत चड वांगडी जेन्ना वेळ प्रसंगार स्वहितांकडे फाट करून समाजहिताचो विचार करतात, तेन्ना ते बऱ्या गुणांचे शेठ थारतात. मात घराब्याच्या म्हालगड्यांनी आपल्या घराब्याची प्रतिश्ठा राखपाचो कितलोय प्रयत्न केलो तरी एखाद्री काशीबाय घरांत रिगून घराब्याचे प्रतिश्ठेक बादा हाडटाच हाडटा.

अशें जरी आसलें तरी त्या घराब्याची कुळदेवता आपली जापसालकी सोडून बसना. तिचे सासायेन घराब्यांत बऱ्या आनी सोसीक मनशांची भर एक सारखी पडत आसता.

ह्याच नेमान नायक घराब्याची प्रतिश्ठा काशीबायन डळमळीत केल्ली. ती जाग्यार हाडून, तिका घटसाण दिवपाचें काम करूंक देवतेन दुर्ग्याक वेंचून काडलां म्हणपाक हरकत आसची न्हय. दुर्ग्या मुखार आतां दोन प्रस्न उप्रासिल्ले. एक प्रस्न आसलो घोवाचें मन राखपाचो. दुसरो आसलो सासुमांयचो. घोवाकडे तें जुळोवन घेवंक शकतालें. पूण काशीबायचें कितें? ती तर वांगडा उजो आनी वारें घेवनूच भोंवताली. ते भायर दुर्गे तिच्या मनपसंतीचें नासलें. ताका लागून तें तिचेकडे कितलेंय बरें वागलें, तरी काशीबायचो मनबदल जावपाक तिचें मन व्हड नासलें. तेन्ना घरांत रात-दीस मांयसुनेची धुसफूस अपेक्षीतूच आसली. मांय-सुनेचो छत्तीसांचो आंकडो जावन घरांत वावरपांत ना मांयचो फायदो आसलो, ना सुनेचो! घरांतल्या दोन बळीश्ठ बायलांमदें गजेंद्राचो मात घुस्मटमार निश्चित आसलो. ही गजाल चतूर दुर्ग्याच्या मतींत येवंक

कळाव लागलोना. आपलो घोव सुखी जातलो तर सासुमांयक, तिचे मर्जे प्रमाण तिका वागूंक दिल्यारूच तें शक्य आसा, ही गजाल दुर्ग्याक कळून आयली. ताणें आतां आपले मांयच्या सोबावाचो पुराय अभ्यास करपाचें थारायलें. तिका कितें जाय-कितें नाका, तिच्यो आवडी-निवडी कसल्यो, तिच्या आवडीचीं मनशां कोण, कसलें खाण-जेवण दिल्यार ती खोशी जातली, ती कित्याक लागून तिडकता ह्यो सगळ्यो बारीक सारीक गजाली दुर्ग्यान समजून घेवपाक सुरवात केली.

सगळ्यांत पयलीं दुर्ग्याच्या लक्षांत आयलें की काशीबाय सद्दां सांजेची देवा म्हऱ्यांत बसून कसली तरी पटी वाचता. दुर्ग्यान आतां देवा कुडीचो बारकायेन नियाळ केलो. थंय शेंकड्यांनी देव बशिल्ले आसले. मात ताळटा येद्यो दोन-तीनूच पटयो आशिल्ल्यो. काशीबाय ह्योच पटयो पर्थून-पर्थून मनांतल्या मनांत वाची.

दुर्ग्यान आनी कळाव केलो ना. दुसरे दिसा ताणें बाजारांत वचून रामायण आनी म्हाभारताचे व्हडले बरे दोन ग्रंथ हाडून देवा म्हऱ्यांत दवरले. तांचेर फुलां घालीं, तांकां नमस्कार केलो आनी दुसऱ्या दिसा सावन लागलें रामायणाचें पारायण करूंक. तें अशे तरेन वाचूंक लागलें की आयकुप्यांनी हातांतलें काम सोडून देवाऱ्याकडे धावन येवचें.

आनी जालेंय तशेंच, दुर्ग्याल्या तोंडांतल्यान भायर पडिल्लीं रामायणांतल्या पात्रांचीं नांवां आयकून, काशीबायचे पांय तिका केन्ना आनी कशे देवाऱ्याकडे घेवन आयले, तिकाच कळ्ळें ना. ती देहभान विसरून, हात जोडून, दोळे बंद करून रामकथा आयकूंक लागली. ती आयकूंक ती इतली गूंग जाल्ली की असल्या वगतार तिका कोणें कितेंय म्हणलें, तिचेर कितलेय मोठ्यान आड्डलो, फाटल्यान येवन रस्तीन कोणेंय चिमटो काडलो, तरी तिचेर कसलोच परिणाम जाय सारखो नासलो.

दुर्ग्यान आतां आपलें वाचन तात्पुरतें थांबयलें. ग्रंथ तांबड्या कापडांत गुटलायलो. ताका फुलां घालीं. दाव्या हातांत घांट आनी उजव्या

हातांत उजवात घेतली. दोळे बंद करून, घांट वाजयत सगळ्या देवां मुखार उजवात घुंवडायली. उजवातीच्या वासान आख्खो बंगलो घमघमलो. त्या वासान काशीबायचे तकलेंतलें भूत खंयचे खंय नाच्च जालें. तिची तकली इतली शांत जाली की तिका कसलीच हालचाल करपाची मात्तूय साबुद्द उरलीना.

दुर्ग्यालें देवाकुडींतलें काम सोंपलें. ताणें फाटीं वळून पळय जाल्यार काशीबाय खूंट कशी उबी आसा. आड पडून आशिल्ली जाल्यार ती मेल्या काय जिती आसा, हें कळूंक कठीण आशिल्लें. दुर्ग्यान तिच्या पायांक स्पर्श केलो. तिचें आंग शिरशिरलें. तिची तकली सडसडीत कुदली. पांयां पसून तकले मेरेन कसल्या तरी बारीक जिवांची धांवपळ जाल्ल्याचो तिका भास जालो. तिणें दोळे उक्ते केले. पळे जाल्यार तिगेली सुनबाय तिच्या पांयांकडे बागवल्ली आसा.

"आई, पांयें पडटां आं!" दुर्ग्यालीं हीं उतरां सतारीच्या सुरां प्रमाण काशीबायच्या कानांतल्यान मेंदवांत रिगून, तिका सर्गीय सूख दिवन गेलीं, तरी काशीबायन दुर्ग्याक आशीर्वाद दिलोना. आनी ताका तिणें फाटूय केली ना. खीणभर ती तशीच उबी रावली. मागीर सगळ्या देवांचेर नदर मारून आपले कुडी दिकेन वळ्ळी.

दुर्ग्यान मारिल्लो फातर आतां ताच्या पथ्थार पडलो. कळाव लायनासतना ताणें दुसऱ्याचो थाव घेवपाचें थारायलें. दुसरे दिसा काशीबायली स्तोत्रपटी वाचून जातकूच, दुर्गें हांसत्या मुखामळान, मंद पावलांनी, काशीबायच्या म्हऱ्यांत गेलें. काशीबायक पांयें पडून जातकूच आपल्या मनांतलें उलोवन दाखोवचेंशें ताका दिसलें–

"आई...!" दुर्ग्यान तकली खाला घालून नमळायेन उलो मारलो. काशीबाय मात आयकून आयकूंनाशें करून वोग्गी रावली.

"आई, हांव तुमकां कितें सांगूंक सोदतां."

"कितें सांगूंक जाय तें बसून सांग. आनी दचकत–भियेत उलोवपाक हांगा कोण वाग–शींव नात. म्हगेल्या घरांतले सगळे

चाकरमाने धिटायेन उलयतात.''

''आई, म्हाका दिसता, घरांतल्या ल्हाना-व्हडाचें आरोग्य बरें उरचें म्हूण एक सत्यनारायणाची पुजा करची.''

सत्यनारायणाचें नांव कानार पडुनूय काशीबायन बरोच वेळ तोंड उगडलेंना. दुर्गे थंयच खट कशें उबें रावलां तें पळोवन ती चड वेळ तोंड मिटून बसुंकूय शकली ना. तिणें दुर्ग्याकडें मात्शें रागानूच पळेलें आनी शेकीं तोंड उगडलें-

''तुका आनी अकस्मात सत्यनारायणाची याद जाली बाये! शिकिल्ल्या आवय-बापायची शिकिल्ली धूव तूं. तुज्या असल्या नटयांनी ओंठांक तांबडें काडून येसफेस करपाचें मगे.''

काशीबायन कोणाचो तरी राग आपले सुनेचेर काडलो.

''हांव तसलें न्हय आं, म्हाका म्हज्या आवय-बापायन बरें देव-धर्माचें शिकयलां.'' दुर्ग्यान नमळायेन जाप दिली.

''आवय-बापायच्यो व्हडविको नाकात. घोवागेर येतकूच सगळ्यो सुनो अशेंच उलयतात.'' एकुलती सून घरांत येवनूय काशीबायन आपलोच कसो अणभव उलोवन दाखयलो.

''खरें तेंच सांगतां आई हांव. आमच्या घरांत घडोवन सांगपाची संवय ना. आनी फट उलोवप तर पाप मानतात आमी.''

आतां मात दुर्गे मात्शें धिटायेन उलयलें. पूण तें जें कितें उलयलें, आपले सासुमांयचो मान राखुनूच उलयलें. दुर्ग्याचीं थंड उतरां काशीबायचे तापट तकलेंत रिगून थंय शितळसाण निर्मितालीं.

अणभवान मनीस शाणो जाता म्हणटात तें फट न्हय. काशीबायक दिशिल्लें गजेंद्रान माडाम हाडल्या ती आपले आवयचे तकलेर मिरयां वाटूंक. आपूण तसो दुसरो अशी तिची समजीकाय जाल्ली. तिच्या नात्यागोत्यांतल्या पुतांनी मोग करून बायलो हाडल्यात. तांच्या मांयांचें रडगाणें काशीबाय आयकत आयिल्ली. आपणाकूय तसलीच सून मेळ्ळ्यार? सुखाचो जीव दुख्खांत घालूंक नाका म्हूण तिणें आपल्या

नात्यांतली सून पसंत केल्ली.

पूण बारा बांयचें उदक पिल्ल्या काशीबायचो गैरसमज आतां इल्लो इल्लो पयसावतालो. दुर्ग्याचे वागणुकेन तिचे दोळे मात्शे मात्शे उक्ते जाताले. तरी शादूर काशीबाय आपले सुनेक पातयेवंक कशीच तयार नाशिल्ली. खूबशा बायलांचे खावपाचे दांत वेगळे आनी दाखोवपाचे दांत वेगळे आसतात, हें ती जाणा आशिल्ली. ती स्वत: तशांतली आसली. ताका लागून दुर्ग्यान तिका कितलेय लाळेगोळे लायले, तोंडांतल्यान कितलेंय म्होव गळयलें तरी सुने मुखार घाळ रावपी सासुमांय ती नासली.

मनशाक सत्तेचो कितलोय माज चडिल्लो आसलो, ताका कितलीय 'ग' ची पिडा बादिल्ली आसली तरी सैम ताचो मद एक ना एक दीस देंवयताच.

काशीबायक आतां उतारवय लागतालें. दुडवांच्या आदारान आपल्याक जाय तशें करूंक जायना, हें तिका आतां हळुहळू कळूंक लागिल्लें. ह्या सुवार्थी जगांत आपल्याचेर मोग-माया करपी कोण तरी हक्काचो मनीस आसचोच पडटा हें आतां तिका इल्लें इल्लें कळूंक लागिल्लें. तिचो हक्काचो घोव आसतना ल्हानविकायेचे विचार तिच्या मनांत केन्नाच घोळ्ळेनांत. बाबड्याक दीस-रात उतरांच्या मारांनी अर्दमेलो करून सोडटाली ती.

घोवान तिचें सगळें आयकून घेतलें आनी सोसलेंय बी. कारण घोवाची शेंडी तिच्या हातांत आशिल्ली. ती सुटिल्ल्यान तिची गत दांत काडिल्ल्या सोरपाबशेन जाल्ली. जो मेरेन तिचो घोव आशिल्लो तो मेरेन तिचीं सोयऱ्यां धायऱ्यां आनी समाज तिका मानान पळेतालो. कांय लोक तिच्या गिरेस्तायेकडे पळोवन तिच्या फाटल्यान लेमेलेमे करताले ही गजाल खरी आसली तरी चडशे लोक तिका अमूक नायकाली बायल म्हणुनूच वळखताले. कांय देवळांतले भट आनी म्हाजन सोडले तर गोंयच्या लोकांमदें ती काशीबाय म्हूण केन्नाच फामाद जाली ना. तिणें

मनांत हाडिल्लें जाल्यार, तिचेकडे आशिल्ल्या संपत्तीचो उपेग करून ती खूब कितें करून नांव कमावंक शकताली. घोवूय तिका जाय ती संद दितलो आशिल्लो. पूण तिणें देव-धर्म करपांत आनी भांगरां-शिंगरां घालून मिरोवपांतूच आपलो जल्म घालयलो.

आतां तिच्या मनांत तिच्या फुडाराचे चिंतेचो किडो वळवळूंक लागलो. तिच्या मावसभावान, वसंतान तिच्या दोळ्यांत चरचरीत अंजन घालून तिचे दोळे उक्ते केले. जगाचें फसवें रूप वसंतान आनी ताच्या घरच्यांनी तिका दाखोवन दिलें.

काशीबायचो घोव ह्या संवसारांत आसमेरेन वसंतागेर काशीबायक हुनहुनीत येवकार मेळ्ळो. उपरांत मात वसंताली नदर काशीबायचेर पडटांच वसंताच्या तोंडाचेर बदल घडून येवंक लागलो. तरी तो काशीबायक आपलो अडेचो चेरो दाखोवन वेळ मारून व्हरतालो. आपले धुवेच्या लग्नाची आस ताका तशें करूंक लायताली.

पूण जेन्ना गजेंद्राचें लग्न दुर्ग्याकडें थारलें, तेन्ना काशीबायक वसंतालें खरें रूप उक्तें जालें. पक्वान्नाचे सुवातेर तिका तांबडी कडी पडूंक लागली.

काशीबाय आतां चिंतूंक लागली, आपल्या मावसभावाक आपणें विश्वासांत घेतलो. ताका लागून घोवाचें लेगीत रागणें पत्करलें. पुताचें लग्न सोडून ती पयस गेली. अशें आसुनूय वसंतान आपल्याचेर मात्तूय विश्वास दवरलो ना. आपले धुवेचें लग्न गजेंद्राकडे जमना, आपलो सुवार्थ सादना तें पळोवन फाटलो-फुडलो कसलोच विचार करिनासतना आपल्याकडे फाट केली. इतलीं वर्सां मायेचीं नाटकां करपी वसंत जर असो तर हेर बरे आसतले अशी खात्री कोणाच्यान दिवं येत? हो सगळो संवसारूच फसवो-फटकिरो! हातचें सोडून पळत्याच्या फाटीं लागप हीं पिशपणाचीं लक्षणां. म्हातारपणांत आपल्या हक्काच्या मनशांचे पांय धुवन उदक पिवपांतूच शाणेपणां आसात, ही गजाल आतां मात्शी काशीबायच्या भेज्यांत रिगूंक लागली. म्हातारपणाचें जिवीत सुखी

जातलें जाल्यार, सून-पुताकडे मारतें व्हरूनच फुडलें पावल घालपाचें तिणें थारायलें.

‘‘तुका खऱ्यांनीच सत्यनारायण पुजचोसो दिसता गे?’’ काशीबायन भावार्थीपणान दुर्ग्याक प्रस्न केलो.

‘‘हय आई...’’ न्हिदेंतल्यान जागें जाल्ल्यावरी दुर्ग्यान जाप दिली.

‘‘तुका अकस्मात पुजा शी येवजली? म्हज्या दोळ्यांत उदक बी लावंक सोदिना मगे?’’

‘‘कोणाच्या दोळ्यांक उदक लावचेलें तें कळटा आं म्हाका. तुमकां बनयलें कितें, आनी म्हजे आईक फटयलें कितें एकूच. आईन म्हाका कोणाच्याच दोळ्यांक उदक लावपाची विद्या शिकोवंक ना. सामकाराक पळोवन चलपाक शिकयलां म्हाका. आनी चलतना वाटेर आडकळ आयली तर ती पयस करून फुडें वचपाकूय कळटा म्हाका.’’

आपलें उलोवप दुर्ग्याच्या मनाक लागलें हे जाणविकायेन काशीबाय मात्शी खंतेली. तरी आपलेंच तुणतुणें फुडें वाजयलेंना जाल्यार ती काशीबाय कसली? आपलें कितेंय चुकलें जाल्यार ‘सॉरीबिरी’ म्हणटा तसली बायल-नाशिल्ली ती.

‘‘तुज्या मनांत कितें शिजता तें कळपाक म्हाका बरोच वगत लागतलो. कितेंय जावं. आप पाप भटा माथ्यार... तुज्या मनांत आयलां देवकार्य करचेलें, कर बाये. हांवें आनी आडमेळें घालें म्हणू नाका. नावाडग्याचें खंय सदांच खाड हालता.’’

तशें उलोवं नाकात गे आई. हांव तुमचेकडें नितळ मनान उलयलां. हालींच आमचें लग्न जालां न्हय, पयलेंवयलें देवकार्य घडूं दी घरांत, अशें दिसलें गे म्हाका! तुमकां अडचणीचें दिसता जाल्यार आसूं. फुडें केन्नाय पळोवया.’’ दुर्गें अशे तरेन उलयलें, की काशीबायच्या काळजाक खंय तरी चर्र जावचें.

‘‘नाका गे बाये. तुज्या मनांत आयलां, येवंदी घडून. गजाकडे उलयल्या मगे हे विशीं- ना जाल्यार अशें म्हणूं नाका, आवय दीस

आनी रात देवां फाटल्यान लागल्या म्हणून.'' आपल्या सोबावा प्रमाण थोमणो मारूंक विसरलीना काशीबाय.

''तो आडमेळें हाडचो ना. देवधर्माचें कार्य घडोवन हाडप वायट न्हय. घरांत शांतकाय पातळटा. मनां पवित्र जातात. मनशां मदलें किल्मिश पयसूय जाता. खोशेचें वातावरण निर्माण जाता. घराक चारचौगांचे पांय लागतात.'' हें सगळें दुर्ग्यान अशे भशेन सांगलें, काशीबायच्या तोंडांतल्यान सुबेज उतरां भायर पडचीं न्हय.

दुर्ग्यालीं उतरां आयकून काशीबायली तकली बरीच शांत जाली. गजाली निवड चुकीची ना, हें तिचें मत आतां पक्कें जालें. सून जर सासुमांयच्या उतरा भायर वचना, तिका फाव तो मान दिता, जाय तें करता, तिच्या अधिकाराक कसलीच बादा हाडिना, धाकांत रावता तर घरांत मांय-सुनेचें कुसमुसांव कित्याक उप्रासूंक जाय? तिणें चितलें, जाल्लें-गेल्लें गंगेक मेळ्ळें म्हणून ह्या फुडें सुनेचेर अधिकार गाजोवन संवसार सांबाळपाचो.

काशीबायल्या काळजांतलें काळें तिच्या चेऱ्यार सदांच पातळिल्लें आसतालें. आतां पुजेच्या बोवाळान तिच्या तोंडावयली काळसाण पयसावली आनी ते सुवातेर हाशें परजळूंक लागलें.

कांय लोक म्हणटात, ह्या संवसारांत देवबीव कोण ना. म्हणू बाबडे, देव आसा आनी ना म्हणलो म्हणून कोणाचो लाव-लुकसाण जावपाचें ना. देव-देव करतल्यान आपल्या घरांक भांगराचे नळे घाल्ले नात वा देव ना म्हणटल्यांची गिरेस्तकाय इल्लीय उणी जाल्ली ना. एक मात खरें, देवाच्या नांवान खूबशो बऱ्यो गजाली घडून येतात.

दुर्ग्यान आपले सासुमांयच्या फुडें पुजेचो प्रस्ताव मांडू नासलो तर गजेंद्र एकटो पडटलो आसलो. हें एकटेंपण केन्ना लेगीत तिगून उरत आसलें, हें कोणाच्यान सांगूं येतालें? काशीबाय जिवीत आसा म्हणसर तर तें शक्यूच नासलें. कारण गजेंद्राच्या लग्नाचेर नायक घराब्याच्या सोयऱ्यांनी बहिश्कार तिकाच लागून घाल्लो.

“आई, हांव ह्या घरांत नवें आयलां. आमचीं सोयऱ्यां कोण आनी तीं खंय खंय आसात तें म्हाका खबर ना. तुमी तांचीं नांवां आनी पत्ते दिल्यार बरें जातलें न्हय?”

“आमचीं? आमचीं म्हळ्यार कोणाचीं गे बाये?” काशीबायन मात्सो कुचित्रीपणान प्रस्न केलो.

“आमचीं म्हणचे म्हज्या घोवाल्या आनी मांय-मांवाल्या सोयऱ्यांचीं. आतां म्हज्या घोवालीं तींच म्हजीं सोयऱ्यां. लग्ना आदीं म्हज्या आवय-बापायलीं सोयऱ्यां तीं म्हजीं आसलीं. आतां तीं म्हाका परकीं जालीं.” हें सांगतना दुर्ग्याच्या दोळ्यांतल्यान दुकां थेंबे केन्ना तिजुल्याचेर पडले, ताकाच खबर ना.

“तशें जाल्यार तूं तुज्या आवयल्या सोयऱ्यांक पुजेक सांगची ना तर गे?” काशीबायलो खोचक प्रस्न.

“तें तुमचेर निंबून आसा. म्हज्या आवय-बापायक मात आपोवचेंशें दिसता म्हाका.”

“आवय-बापायकूच कित्याक? येवंदी तांगेलीं सोयऱ्यां येतात तितलीं. सांग गजाक आमंत्रण पत्रिका छापूंक. हांव म्हगेलीं नांवां सांजमेरेन दितां.” हें सांगतना काशीबायच्या चेऱ्याचेर पुनवे चंद्रीम उदेलो.

कुड्डो मागता एक दोळो आनी देव दिता दोन, म्हणटात तशें दुर्ग्याचें जालें. काशीबायन पुजेक तर मान्यताय दिलीच, ते भायर दोनूय वटयांच्या आप्तेश्टांक एकठांय हाडपाची संद दुर्ग्याक उक्तेपणान मेळ्ळी. मनशाचें मन बरें आसल्यार थोडेशे प्रयत्न केल्यार मनांत येवजिल्लें खूबशें सादून येता. कामाची चिकाटी मात सोडूंक फावना.

दुर्ग्यान तेंच केलें. काशीबायच्या कुसकेपणान ताच्या लग्नाक बादा आयिल्ली. गजेंद्रान आवयचें सांगणें-म्हणणें आयकनासतना एके गरीब चलयेकडे लग्न केल्ल्यान नायक घराब्यांत विस्कोट तयार जाल्लो. तो ना करून एकवट सादोवन घेवपाक ताणें सत्यनारायणाचो आदार घेतलो.

भगतांक देंवचार-ब्रेताळांक बी मनोवप एक वेळ सोंपें आसत,

पूण एके सुनेन आपले सासुमांयक समजावप म्हा-कठीण आसता. आनी दुर्ग्यान हें काम सहजातायेन केलें.

दुर्गे आतां इल्लें चडूच खोशेलें. आपले सासुमांयत घडून आयिल्ल्या बदलान दुर्ग्याच्या आंगार आतां मूठभर मांस चडिल्लें. ताचे येवजणेंतल्या कार्यांतली एक व्हडली अडचण पयस जाल्ली.

आतां तें आपल्या घोवाक फुलां माळूंक गेलें. फुलां माळूंक? हय फुलां माळुंकूच! दुर्ग्यान घरच्या घराच पुजा करपाची थारायल्ली तर गजेंद्र ती खिणांत सा करतलो आसलो. पूण दुर्ग्याक जाय आसलो पुजेचो व्हडलो दबाजो. पुजेक सासुमांयले मर्जेंतलीं चडांत चड मनशां ताका आयिल्लीं जाय आशिल्लींच. ते भायर आपल्या घोवाल्या इश्ट-मित्रांल्यो गाडयो दारांत उब्यो जाल्ल्यो जाय आसल्यो.

तशें पळोवंक गेल्यार, दुर्ग्याक झेत मारूंक मातूय आवडनाशिल्लें. पूण सोयऱ्यांधायऱ्यां, इश्ट-मित्र गिरेस्त आशिल्ल्यान कसलोय दबाजो करता तो तांकां फाव तसोच करचो पडटा न्हय?

दुर्ग्यान आतां आपली येवजण गजेंद्राक सांगली. खरें म्हणल्यार गजेंद्र पुजेच्या फावोरार नाशिल्लो. हालीं असत्त्यान वागपी लोकूच सत्यनारायणाची पुजा घडोवन हाडटात, हाची जाणविकाय गजेंद्राक जाल्ली.

हालींच एका वेपारी इश्टान गजेंद्राक आपल्यागेर पुजेक आमंत्रीत केल्लो. थंय देवाच्या नांवान लोकांची गर्दी जाल्ली. पूण एका तेंपार सत्यनारायणाची कथा आयकूंक निदान बायलो तरी गर्दी करून बसताल्यो. तांच्या म्हऱ्यांत भुरगींबाळांय बसून कथा आयकतालीं. ताका लागून तांचेर बरे संस्कार घडून येताले.

पूण गजेंद्राक आपल्या इश्टागेर भलतोच अणभव आयलो. भट बाबडो देवा म्हऱ्यांत बसून भावार्थान कथा वाचतालो आनी दादले-बायलो भायर कदेलांचेर बसून चकाटां मारतालीं. भुरगीं घरभर धांगडधिंगा घालतालीं. हाजीर आशिल्ल्या लोकांच्या मनांत भक्तीभाव मातूय दिसून

येनासलो. थंय जें कितें चलतालें ती फक्त भोगावळ. ताका लागून गजेंद्रान आपल्या इश्टाक हात दिवन, थंयच्यान कशेयभशेन आपली सुटका करून घेतिल्ली. लोकांच्या मनांत देवभक्ती नासली जाल्यार देवपुजेचे भानगडींत कोणें पडचें न्हय, अशें गजेंद्राक दिसतालें.

मनांत नासुनूय, दुर्ग्याक दुखोवचें न्हय म्हूण पुजेचो आक्त घडोवन हाडपाक गजेंद्रान मान्यताय दिली. फक्त मान्यताय दिवन गजेंद्र वोगी बसलोना. दुर्गें एकटें पडचें न्हय म्हूण ताणें ताचे मजतीक मंगेश आनी ताराक आपोवन घेतलीं. ह्या घोव-बायलेचेर म्हत्वाचें काम सोंपोवन काळजी विरयत बसूं येता, हाची खात्री गजेंद्राक आसली.

आपणें येवजिल्लें काम सोंपेपणान तडीक वता तें पळोवन दुर्ग्याक आतां चडूच नेट आयलो. मातूय वगत लायनासतना तें सासुमांयकडे धांवलें. काशीबायन शेंसवायशें बायलांच्या नांवांची वळेरी तयार करून दवरिल्ली. हे वळेरींतलीं बायलां सगळ्या थरांतलीं आशिल्लीं. ते भायर तिणें आपल्या नात्यांतल्या लोकांच्या नांवांची वळेरी वेगळी तयार केली. अशे तरेन काशीबायनूच बरोवन काडिल्ल्या नांवांची संख्या आतां दोनशांचेर पाविल्ली.

हें सगळें जाल्या उपरांत दुर्गें घोवा फाटल्यान लागलें. गजेंद्राचो इश्टपरिवार ल्हान न्हय. बापूय आसतना तांची दाटी आशिल्ली. आतां ते पयस जावपाचे वाटेर आशिल्ले. आदल्या सारखें तांचें येवप-वचप जायना. तांकां लागीं करपाक कसलेंय तरी कारण सोदून काडपाची गरज आशिल्ली. हें कारण बरें आसा अशें दुर्ग्यान गजेंद्राचे तकलेंत भरून दिलें.

आतां दुर्ग्यान आपल्याय कुळाराच्या लोकांच्या नांवांची येवजण केली. चडांत चड वीस-पंचवीस लोकांक आमंत्रण दिवचें अशी दुर्ग्याची इत्सा. हो आंकडो ताणें सासुमांयक उलोवन दाखयलो.

पुजे उपरांत सत्यनारायण दुर्ग्याचेर प्रसन्न जायत तो जायत, काशीबाय मात आपले सुनेचेर हिसपा भायर आतांच प्रसन्न जाल्ली.

ताणें आपल्या मनांत येता त्या लोकांक आमंत्रण दिवचें अशें तिणें खोशेन सांगलें. पुजेची तयारी करपाक उणेच आठ दीस तरी जाय आसले. पूण दुर्ग्यान पंदरा दिसांची येवजण केली. मडगांवच्या फामाद नायक घराब्यांतलें देवकार्य तें. कशाकशेंय जावंक उपकारता? आतां सगळ्यांगेर फोन आसले म्हूण कितें जालें? आमंत्रणां छापून तीं जोडप्यान वचून दिल्यार उपकारतात? नायक घराब्याक सोबता तशीं जावंक नाकात तीं! चड पयस नाका, गजेंद्राच्या आज्या मुस्तींत तांगेर कोणूय लग्न-मुजीचें आमंत्रण घेवन आयलो जाल्यार एक तरी जेवण जेवन वतालो. जेवतल्याक चार-पांच धेंकर सोडून मात्सो आड पडल्या बगर जेवण हरगतीक पडनासलें. ही रीत चड करून सगळ्यांगेरूच चलताली त्या तेंपार!

आतां कोणूय म्हणटलो, सोयऱ्यांगेर भुसक्याक रावपाचो तेंप आतां उरूंक ना. गजाल खरी आसली तरी दुर्ग्याक कार्तेरा भशेन आमंत्रणां वाटप मातूय पसंत नासलें. जेवण ना जाल्यार उणोच च्याचो आक्त तरी आसचो अशें ताचें मत्त आसलें. कोणच्याय घराक पांय लागलो जाल्यार देड-दोन वरां तरी थंय घालोवंचीं अशें दुर्ग्याक दिसतालें. कारण, तशें केल्ल्यान थंय निकटी फर्मालदाद उरना. एका-मेकाचीं मनां जोडून मनशांमदें ओड निर्माण जाता. ताकाच लागून दुर्ग्यान गजेंद्राक कुथायल्लो, उणेच दोन वरां तरी जणेकल्यागेर घालोवपाक! त्या पासत तांकां पंदरा-वीस दीस तरी जायच आसले.

दुसरी गजाल अशी की सद्याचो मुखेलमंत्री एका तेंपावेलो गजेंद्राच्या बापायचो आमीग आसलो. ताका आमंत्रण दिलें ना जाल्यार तो गजेंद्राचेर रागार जावपाची दाट शक्यताय आसली. आनी ताका आमंत्रण दितलो जाल्यार उणेच पंदरा-वीस दिसांची येवजण ही आयलीच.

इतलें सगळें करून जाल्या उपरांत दुर्ग्यान आपल्या मनांतली पुजेची येवजण आपल्या बापायच्या कानार घाली. पुजेचें कारणूय सांगलें. गुरूजीक तें कारण मानवलें. गुरूजीन पुराय मजत करपाचें वचन दिलें.

गुरूजी तसो बऱ्यांतलो बरो संघटक. ताणें पुजेचो आंवाटो केदो

आसतलो हाचो अदमास घेतलो. आपलो जांवय पुजेखातीर कितलो पयसो खर्च करूंक शकता, हाची कल्पनाय ताका आशिल्ली. पुजेचो प्रस्ताव मान्य जायना फुडें गजेंद्रान एका लाखाचो चेक मंगेशाच्या हातांत सोंपयल्लो. ही फक्त सुरवात आसली. 'पुजेच्या आक्तान आख्खें मडगांव गाजूं दी, दुडवांचें तोंड पळोवं नाका.' अशें गजेंद्रान चेक दितना मंगेशाक सांगलें.

कितलोय दुडू आसलो म्हूण सगळेंच मेळटा अशें ना. पुजा घरच्या घरा करपाची थारायल्ली जाल्यार व्हडलेंशें कांयच नासलें. हे पुजेक गजेंद्र आनी दुर्गे सार्वजनीक स्वरूप दिवंक सोदतालीं. ते पासत खूबशो अडचणी उप्रासपाची शक्यताय आसली. सगळ्यांत व्हडली अडचण आसली सुवातेची. मडगांवांत सभाघरां जायतीं आसलीं. पूण तीं लग्नां, नाटकां, सभांक बी उपकारपाचीं. पुजा उकत्या मळार माटवांत जाल्यार ती सोबता आनी थंय पवित्र वातावरणाची निर्मणी जाता.

आमची भारतीय संस्कृताय उक्ते मळार धोलत आयल्या, व्हांवत्या वाऱ्यार फुलत आयल्या, धांवत्या उदकार गायत आयल्या, ती बंदीस्त जिवीत उध्वस्त करता. हें सत्य गुरूजीक खबर आसलें.

गुरूजी फकत गजेंद्राचो मांव नासलो. ताका समाजकार्याची आवडूय आसली. ताणें शिक्षणाकडे ओड नाशिल्ल्या कितलेशाच भुरग्यांक समाजकार्य-समाज सेवेची दिक्षा दिल्ली. आज मडगांवांत मदेकात शाळा सोडिल्ले कितलेशेच भुरगे हे ना ते संस्थेचे कार्यकर्ते म्हूण वावुरतात.

गजेंद्रान पुजेची जापसालदारकी मंगेशाचेर सोंपयली खरी, पूण धिरान कसल्याय कार्याक माथें मारपी मंगेश आतां मात्सो गडबडलो. हे पुजेचें कार्य एकाद्र्या लग्नकार्याहून व्हड आसा हाची कल्पना ताका आयली. हें कार्य तडीक व्हरतलो जाल्यार ताका एक तरी ताचेच तोडिचो वांगडी जाय आसलो. ताका गुरूजीची याद जाली. गुरूजी आपले धुवे लग्ना वेळार कशे तरेन वावुरलो हें पळोवन मंगेश खूबदां अजापीत जाल्लो.

ताणें वगत केलो ना. रोखडोच गुरूजीकडे धांवलो.

गुरूजी तसो सगळ्यांकूच मानान वागोवपी. पूण मंगेशाकडें इल्लो ताचो चडूच जीव लागून आसलो. ताका दोन कारणां आसलीं. एक तो गजेंद्राचो इश्ट आसलो. दुसरें ताचो सोबाव थंड आनी रेक्त आसलो. दाखय-लिपय करप ताच्या रगतांत नासलें. जशें उलोवप तशें करप!

''येयात मंगेशबाब! अकस्मात शे आयले? बरें चल्लां मूं सगळें?'' गुरूजीन सडसडीत भायर येवन अजापीत जावन प्रस्न केलो.

''तुमचे धुवेच्या पांयगुणान म्हज्या इश्टाच्या बंगल्यार नंदनवन फुलता गुरूजी!'' गुरूजीच्या पायांक स्पर्श करीत मंगेशान मत उक्तायलें.

''लजेक घालूंक नाकात म्हाका.''

''दिसता आनी अणभवतां तेंच उलोवपाची संवय आसा म्हाका. तें आसूं हांव एक म्हत्वाच्या कामांक आयलां तुमचेकडे.''

''म्हाका शक्य आसल्यार अवश्य करीन. सांगात तुमी.''

''गुरूजी, जाता तितक्या बेगीन आमकां पुजेच्या कामाक लागूंक जाय. गजेंद्रान तें काम म्हजेर सोंपयलां.''

''योग्य मनशाकडेच सोंपयलां तें.''

''म्हाका तें तडीक व्हरूंक तुमची मजत जाय.''

''बरें आसा. तुमची येवजण कितें आसा, ती म्हाका सांगशात?''

''हय. कार्यावळ कशी आसची, ती हांवें बरोवन काडल्या. तुमी ती नदरेखाला घालात. तिचेर मागीर सवकासायेन उलोवया. सद्या आमच्या मुखार एक व्हडली अडचण आसा.''

''कसली अडचण?''

''तिनेक हजार कदेलां मांडूंक जाता, अशी उक्ती सुवात ह्या शारांत बी खंय आसा?''

''उक्ती? उक्तीशी!''

''उक्ती म्हळ्यार माटोव घालून मागीर मोडूंक मेळटा तसली.'' गुरूजी पेचांत पडलो. शारांत असली सुवात मेळपाक कठीणूच.

गुरूजीच्या मनाक खिणांत पाखां फुटलीं. तें भुर्र करून शारभर उडून आयलें. मंगेशाक जाय तसली सुवात ताका लागसाराक खंयच दिसली ना.

गुरूजीचें मन निर्शेवन जाग्यार बसलें मात, ताचे तकलेंत लख्ख करून ट्युबलायट पेटली. 'हांडीर आसा चेडो आनी सोदता सगळो वाडो' म्हणटात तशी गत जाली गुरूजीची. ताच्याच इश्कोलाचो विशाळ फुटबॉल ग्रावंड गुरूजीच्या दोळ्यां मुखार उबो जालो. ग्रावंडाक चारूय वटयां चिरेबंदी शेर्क आसलो. गेटींतल्यान ग्रावंडार येंत्राद जांतकूच उजवे वटयां पार्कींगाची वेवस्ता आसली. ग्रावंड इस्कोलाक तेंकून आशिल्ल्यान तो सगल्या सोयींनीं युक्त असो आसलो.

"मंगेशबाब, तुमकां जाय तसली सुवात सांपडली."

"आरे वा! खंय सांपडली?"

"आमचो स्कुलग्रावंड कसो आसा?"

"हांवें पळेला तो. सुवात बेस बरी आसा."

"शाराच्या मदेकाक आसा."

"पूण गुरूजी, इस्कोलाचें कितें? आमची कार्यावळ उणेच दोन दीस चलतली. वेवस्थापन परमिशन दितलें?"

"वेवस्थापनाचें हांव पळोवन घेतां. तुमी अजिबात काळजी करूं नाकात. आमचे संबंद तशे खूब बरे आसात. ते भायर गजेंद्र देवकार्य घडोवन हाडटा म्हणल्यार वेवस्थापनाक चड खोशी जातली. कारण गजेंद्राच्या बापायन ते संस्थेचेर खूब उपकार केल्ले आसात."

ते दीस शियांचे आसले. देजेंब्र निकतोच लागिल्लो. जात्रा-फेस्तांचे दीस आसले ते! आनी विसेक दिसांनी नातलांच्यो सुटयो पडपाच्यो आसल्यो. त्या दिसांनी कार्यावळ घडोवन हाडल्यार कोणाकूच अडचणीचें नासलें.

गुरूजीन मंगेशालें काम एकदम सोंपें करून दिल्लें. सुवातेची व्हडली कटकट पयस जाल्ली. आता मुखेलमंत्र्यांची अपोयंटमेंट घेवन

दीस थारावपाचो आसलो.

मडगांव शार हें हिन्दू संस्कृतायेचें केंद्र. मडगांवची दिंडी गोंयांत आनी म्हाराष्ट्रांतूय चडूच फामाद. ह्या वर्सा असलेच तोडिचो आनी एक उत्सव मडगांवांत घडोवन हाडपाचें काम गुरूजीच्या आदारान मंगेशान करपाचें थारायलें.

गुरूजी हो एक आदर्श शिक्षक आसलो. एकाद्र्या आदर्श शिक्षकान मनांत हाडल्यार तो खूब कितें करून दाखोवंक शकता. शाळेच्या फुटबॉल ग्रावंडाची येवजण ही गुरूजीची आसली. ह्या ग्रावंडाच्या सरभोंवतणी आंब्याचे रूख वाडिल्ले आसले. सांजेचीं चार वरां जाता म्हणल्यार अर्दो ग्रावंड सावळेन भरतालो. ताका लागून शाळेचीं सम्मेलनां आनी हेर कार्यावळी ह्याच मैदानाचेर जाताल्यो. ते पासत शाळेच्या वेवस्थापनान लोखणाच्या सान खांब्यांची एक माची तयार करून दवरिल्ली. ही माची खंयच्याय वेळार अर्दे वरा भितर निखळावंक, घडोवंक जाताली. माची घडोवपा आनी सजोवपा खातीर लागता ती सामुग्री शाळेकडे आशिल्ली.

मंगेशाक जेन्ना गुरूजी कडल्यान ही सगळी म्हायती मेळ्ळी, तेन्ना ताजे तकलेवेलो पेज खूब उणो जालो.

हें सगळें जाल्या उपरांत, मंगेशान तीन दिसांची भरगच्च कार्यावळ बरोवन काडली. पूजाप्रसाद, कथाश्रवण, एकमेकांची वळख करून घेवप, भजन-किर्तन ही पयल्या दिसाची कार्यावळ, दुसऱ्या दिसा गोंय आनी गोंयांभायल्या सुप्रसिध्द गायकांचें गायन, तिसरे दिसा सांजवेळां गुरूजीच्या इश्कोलांतल्या भुरग्यांनी निर्मिल्ली नृत्यनाट्याची कार्यावळ आनी रातीचें मुंबयच्या नावाजत्या कलाकारांचें संगीत नाटक.

गुरूजीच्या आदारान मंगेशान घडोवन हाडिल्ली ही पुजा खऱ्यांनीच म्हापुजा थारली. अख्ख्या गोंयकारांक ती एक पर्वणीच आसली. संगीत नाटकांचें पिशें आशिल्ल्या एकान एक मडगांवकारान नाट्यास्वाद घेतलो.

गायनाक आनी नाटकाक तर इतली गर्दी जाल्ली की माटोव नासलो जाल्यार आख्खें मळ भरतलें आसलें. माटवाचे आडखळीन

उबगून हजारांनी लोकांक परत वचचें पडलें.

अशें म्हणटात की नितळ मनान केल्लें कार्य देवाक पावता. ताचें फळूय देव रोकडेंच दिता. दुर्ग्यान निस्वार्थ बुद्‌दीन पुजा घडोवन हाडली. आपली गिरेस्तकाय वाडची, आपल्या मनशांची भलायकी बरी उरची, दुस्मानांचें वायट जावन आपलें बरें जावचें म्हूण दुर्ग्यान आंगवण बी करूं नासली. दुर्ग्याक देवसपणाचो खरेलो अर्थ खबर आसलो. आंगवण्यांनीं देवाक प्रसन्न करून आपलेंच बरें घडोवन हाडचें, असो सुवार्थी हेत नासलो दुर्ग्याचो. आपल्या घराब्यांतल्या लोकांचीं मनां तुटल्यांत तीं जोडपा खातीर हें शास्त्रशुद्‌द देवसपण घडोवन हाडिल्लें दुर्ग्यान. देवान ताका शंबर टक्के यश दिलें.

एका हातान केन्ना टाळी वाजना म्हणटात! चडशा मांय-सुनांचें पटना अशें अणभवी जाणटेले म्हणत आयल्यात. पूण सोसीक आनी समजीकायेचे मांयन ना तर सुनेन मनांत हाडल्यार ह्यो सगळ्यो म्हणण्यो फटी थारावंक येतात, हें दुर्ग्यान आपले वागणुकेन लोकांक दाखोवन दिलें.

दुर्ग्यान चिंतलें, आपले सासुमांयचीं आतां धा सोंपून पांच उरल्यांत. आयज ना फाल्यां ती आपले दोळे वरशे करतलीच. मागीर राज्य आपलें, आपूण करीन ती पूर्व दिशा. सद्या आपूण ल्हान जावन तिचें व्हडपण मानून घेवपांतूच शाणपण आसा, अशें दुर्ग्यान थारायलें.

दुर्ग्याच्या प्रयत्नान नायक घराब्याची विस्कटलेली घडी जाग्यार पडली. सत्यनारायणाचे कृपेनूच हें सगळें घडून आयलें. पूण फुडें कितें? दुर्ग्याची परंपरा फुडें चालंत उरतली? काय ग रे माझ्या....

:९:

देवाचे कृपेन आतां गजेंद्र नायकाच्या बंगल्यावेल्यान सुखसमाधानाचें वारें व्हावंक लागलां. इश्टमित्र आनी जिवा-भावाच्या मनशांचें येवप-वचप आतां दचकविरयत जावंक लागलां. दुर्ग्याच्या

सोयऱ्यां-धायऱ्यांचेय पांय दिसपट्टे लागूंक लागले. शेजाऱ्या-पाजाऱ्यांचेंय सदांकाळ उठप-बसप जावंक लागलें. कांय वेळ खंयतरी दडी मारून बशिल्ली खुशालकाय आतां बंगलोभर नाचूंक-खेळूंक लागली.

काशीबायचे गैरहाजेरींत दुर्ग्यान बंगल्या भोंवतणी आपल्या पसंतीचीं फुलझाडां लायिल्लीं. फुलझाडां हीं मनशां नासलीं तरी तीं मनशांच्या सुखा-दुख्खाकडे समरस जाताच. मनशांच्या भावनांची जाणविकाय तांकां जाताच. ताकाच लागून बंगल्यार वावुरपी भायर भितरल्या मनशांच्या मनाची खुशालकाय पळोवन तीं गरगरीत वाडलीं. आनी वाऱ्याच्या ल्हारांर धोलूंक लागलीं. फुलांनी भरिल्लीं हीं झाडां, बंगल्यार आयिल्ल्या गेल्ल्यांचीं मनां आपलेकडें आकर्शीत करूंक लागलीं. आपल्या सुगंधान मनान मन धुंद करून सोडूंक लागलीं.

दुर्ग्याक टीव्ही-रेडियोवेल्या मानवी गीतांहून पोरसांतल्या वाली-रोपावेलीं सवण्या गीतां आयकूंक भोवच आवडटालीं. हे वर्सा तर विपरीत घडलें. शिगम्या म्हयन्यांतूच घोग्यांचो पावस कोसळ्ळो. ताका लागून सैम सपनेलो. मिर्गार-जुनाचे सुर्वेक फुलपी फुलां चैत्राचे सुर्वेकूच फुललीं. धव्यापुल्ल मोगऱ्यांनी अनंताच्या फुलांनी अख्खें मडगांव सांज-सकाळ मोन्यानी हांसूंक लागलें.

हिन्दूंल्या घरा लागीं चड करून दसण आसताच. हेंच एक फुलझाड वर्सभर देवा खातीर फुलता. ताका देवा परस देवभक्तांचीच चड काळजी आसता, अशें दिसून येता. ताकाच लागून उदकपाणयांची आस बाळगी नासतना, कित्याचीच अपेक्षा करी नासतना, कडक वोतांत लेगीत तिश्टतात हीं दसणींचीं झाडां! ह्या झाडांची चड इश्टागत आसता ती किरांकडे. पांचव्या पाखांचे कीर तांबड्यो चोंची घेवन दसणीचेर येवन बसतात, तांच्यो तांबड्यो चोंची दसणेचे बोंगेच कशे दिसतात.

वाडिल्ली दसण ही किरांचें विसवघर. हांगा-थंय हेडून जातकीर, थकून भागून हे कीर विसवघरांत बसून सुसेग घेतात. तशें करतना तांची

नदर मात लागसारच्या पेरी झाडार आसता. लोकांची नदर चुकोवन, बोवाळ करी नासतना पेरांचेर ताव केन्ना आनी कसो मारचो ही बुद्द तांकां देवान दिल्ली आसता.

भक्तांक देवाची पुजा करपाक फुलांची गरज आसता. चडशा भक्तांक विकतीं फुलां हाडून देवाची पुजा करपाक ताकना. ताका लागून देवान ही सदाकाळ फुलां दिवपी दसण निर्माण केल्या जांवये!

ह्या संवसारांत वायट-बऱ्यो करण्यो सतत घडत आसतात. वायट करण्यो वायटांकडच्यान तर बऱ्यो बऱ्यांकडच्यान. अर्थात वायट कर्मां आमी मनशांच्या माथ्यार थापतात आनी बरीं देवाच्या पदरांत सोडटात. कारण देव केन्ना वायट करिना, अशी आमची कल्पना आसता. आयज जो नायक बंगल्यार बदल घडून आयला ताचें श्रेय लोक देवाकूच दितात. नायक घराण्यान सत्यनारायणाची पुजा केली आनी बंगल्यावेलें दुशीत वातावरण शुद्ध जालें, अशें लोक म्हणूंक लागले.

खरें म्हळ्यार हो बदल, दुर्ग्याल्या सुकृतांतल्यान घडून आयिल्लो.

दुर्ग्यालें आनी काशीबायलें आता खूब जमिल्लें. मांय-सुनेची इतली गट्टी जातली अशें कोणें सपनांत लेगीत चिंतूंक नासलें. हें जें कितें घडलां तें आपशींच मात घडूं नासलें. सुसंस्कृत मनाच्या दुर्ग्यान तें आपलें मन मारून घडोवन हाडिल्लें.

कुटूंब जावं, गांव जावं ना तर आख्खो देस जावं. शांतकायेच्या वगतार सगळे जाण सुखान लोळपाचोच विचार करतात. संघर्शाच्या उपरांत जैतवंत जाल्ल्यांक गोडधोड खावपाचें येवजता.

काशीबाय आतां आपले सुनेकडेन कसलोच संघर्श करूंक तयार नासली. उसरां आयिल्लें शाणेंपण तें! मनीस नेट आसा म्हणसर उड-उड उडटा. मागीर नरम पडटा. काशीबायलेंय तशेंच जालें. जाता सर तिणें खूब कितें केलें. आतां नज शें दिसतकूच देव-देव करीत बसन शें दिसलें तिका. आपल्या हातांत अधिकार आसुनूय आपली शेंडी दुर्ग्याच्या हातांत दिल्या बगर दुसरो पर्याय तरी कितें आसलो तिका?

एक दीस सालांत बसून काशीबाय कितें तरी चिंतीत आसली. चित्तां-चित्तां तिची नदर वण्टीर लांबयल्या बालकृष्णाच्या चित्राचेर पडली. चित्रांतलो बालकृष्ण गुटगुटीत आनी हांसत्या तोंडाचो आसलो. ताका पळोवन काशीबायक दिसलें, आपल्याय आंगा-खांदार एक असलोच भुरगो खेळचो.

आपल्याक एक नातू, फक्त नातू आसचो अशें खूब दीस पयलीं पसून दिसतालें काशीबायक. आपले मनांत कुसकेपण आशिल्ल्यान आपली भावना ती कोणाकडे व्यक्त करूंक शकनासली. मात सत्यनारायणाच्या पुजेवेळार तिणें हात जोडून, दोळे मिटून देवाकडे मागणें केल्लें की आपल्याक एक नातू जावचो. पूण सत्यनारायण तिका अजून पावलो ना.

एक दीस रावंक नज जावन काशीबायन आपलें मन दुर्ग्या मुखार उक्तें केलें-

"सुनबाय!"

च्यांत बुडयल्लो सुके रोटयेचो कुडको तोंडांत धुकलीत काशीबायन म्हळें.

"कितें आई, च्यांत साखर उणी आसा?"

मेजार च्या पिवंक बशिल्लेकडे आसतना, च्याचें कप उखलीत दुर्ग्यान जाप दिली.

"ना गे बाये! म्हजे आतां चड गोड खावपाचे दीस उरूंक नांत. पूण पेडे दिवन लोकांचीं तोंडां केन्ना गोड करीनशीं दिसता."

काशीबाय तकली वयर काडिनासतना उलयली.

"आई उलयात तुमी तुमच्या मनांतलें. घरांत आनी कसलें देवकार्य घडचें शें बी दिसता तुमकां?"

"म्हज्या घरांत पाळणें हालचें शें दिसता."

"आई, आयज बिरेस्तार न्हय, दनपारांक रोस कसलो करूया?"

"हांव पाळण्याचें उलयलां, सवराकाचें न्हय. बेटोच विशय बदलूं नाका."



‘‘तें तुमच्या पुताकडें उलयात.’’ दुर्गें लजत लजत उलयलें.

‘‘ताचेकडें कितें उलय सारकें आसा? फोंस्स करून आंगार येतलो.’’

काशीबायन आपलो अणभव उक्तायलो. खरें म्हळ्यार गजेंद्र थंड सोबावाचो. आपल्या बापायच्या वळणार गेल्लो. हीं ‘फोंस्सबिस्स’ उतरां काशीबायचे तकलेंतलीं. दुडवां फोर्सान निर्माण जाल्लीं.

‘‘आई तूं कित्याक निर्शेता गे ! आमच्या लग्नाक चड दीस खंय जाल्यात? गजेंद्राक इतले बेगीन भुरगें नाका खंय!’’

‘‘ताका नाका जावं, म्हाका जाय. तोय बी नातू.’’

‘‘नातूच सो? नात कित्याक नाका?’’

‘‘नात घोवागेर वतली. मागीर तुमच्या फाटल्यान देवाक वात कोण लायतलो?’’

‘‘नात लायतली.’’

‘‘अशें केन्ना घडटा? बेटेंच रिती भायलें कित्या कितेंय उलोवं नाका. देवाक वायट दिसत.’’ काशीबाय चिडकेली. तरी दुर्ग्या मुखार मात्शी दचकली. हालीं ती दुर्ग्या मुखार सांबाळुनूच उलयताली. आपली राखण आपली सुनूच करूंक शकता, हाची काशीबायक खात्री जाल्ली.

जाण्ट्यांच्या भावनांची कदर केल्यारूच संवसार सुखाचो जाता, हाचो अणभव दुर्ग्याक आसलो. दुर्ग्याचो आवय-बापूय जाण्ट्यांकडे कसो वागतालो हें दुर्ग्यान पळेल्लें.

आवयक पुताचें, आज्जेक नातरांचें सूख ते-ते वेळारूच मेळूंक जाय, ही सैमाची गरज आसता. सैम आपले इत्से आड गेल्ल्यांक सैमीक सूख कशेंच भोगूंक दिना. ताकाच लागून आदले लोक आपलीं सगळीं कामां वगतार करप गरजेचें समजताले.

गजेंद्रा भशेन दुर्ग्याकूय दिसतालें, लग्ना उपरांत उणींच दोन वर्सां तरी भुरग्यांची कटकट नाका. एकदां भुरगें जातकीर ताचेकडें कोणाय भशेन आडनदर जावचें न्हय अशें दुर्ग्याक दिसतालें. भुरग्यांक पुरायेन

सर्वंटांकडें सोपोवप हेंय दुर्ग्याक मानवपा सारकें नासलें.

ते भायर गजेंद्रान दुर्ग्याक घेवन भायल्या देसांची भोवंडी करपाची कार्यावळ तयार केल्ली. आयज मेरेन दोन देसांची भोंवंडी तांणी केल्लीय बी. पूण दुर्ग्याक भोंवडेंत व्हडलोसो रस नासलो. गजेंद्राचे इत्से खातीर तें तयार जाल्लें, ताच्या वांगडा भोंवपाक.

पूण आतां काशीबायन व्यक्त केल्ल्या भावनांनी दुर्ग्याचेर बरोचसो परिणाम केल्लो. दुर्ग्याक दिसलें आपले मांयन आतां साठी हुपल्या. असलीं मनशां केन्ना ह्या संवसाराक अंतरत हाचो नेम ना. तेन्ना तांच्यो इत्सा पुराय करप हें तांच्या भुरग्यांचें कर्तव्य आसता. आपल्या मना सारकें जालें ना तर तांचे आत्मे अशांत उरतात. सदांकाळ घरांत चिडचीड उप्रासता आनी ती कायम उरता. सगळींच मनशां आपल्या इत्सांचेर चेपण घालून जगूंक शकनात.

दुर्ग्यान चिंतलें, आपल्या सुखा खातीर सासूमांयक दुख्ख भोगूंक लावप समा न्हय. नातरांची वाट पळयत-पळयत तिका कितेंय जालें जाल्यार? मागीर जल्मभर पिकासांव नाका!

गजेंद्र दुर्ग्याक घेवन, एक दीस चुकय नासतना खंय ना खंय पासयेक वतालोच. दुर्ग्याचो सांगात ताका दिसान दीस सूख दीत आसलो. तिसऱ्या मनशाचो वांगोड ताच्या सुखांत बादा हाडी सारको आशिल्ल्यान तांकां भुरगें बेगीन नाका हेंय एक कारण आसलें.

तरी काशीबायन आपल्या मनांतल्यो भावना उलोवन दाखयल्यो तेन्ना सावन दुर्ग्याचें मन अथीर जाल्लें. बायलांचें सूख वगतार भुरग्यां बाळांक खेळोवपांत आसता हाची जाणविकाय आतां दुर्ग्याकूय जावंक लागिल्ली. गजेंद्राचें मन सांबाळपा पासत तें आयज मेरेन गप्प आसलें.

गजेंद्राक मदें-मदें दुर्ग्याक घेवन दर्या देगेर वचूंक आवडटालें. गेल्ल्या आयतारा तीं कोलवा गेल्लीं. आयज तीं मुजरत शिर्धनचे दर्या वेळेर गेल्लीं. शिर्धनच्या एका पोताक नजरंय म्हूण वाडो आसा. कांय लोक त्या वाड्याक नदरंय म्हणटात.

ह्याच वाड्यार दर्याक तेंकून एक उंचायेचो उडो आसा. उडो हे खातीर म्हणपाचें कारण, ताका दोंगर म्हणप समा जावचें ना. शिर्धना गेल्लो रस्तो जे सुवातेर सोंपता, थंय भाट आसा. मात उजवे वटेन एक मात्शी चडटी कोमेस जाता. ही चडटी चडून वयर पावता म्हणसर चडटल्याक खरस येता आनी सपाट तेंगशेर आशिल्ले इगर्जेंतल्या जिजस नाजारेथच्या पांयांकडेन पाविल्ल्याची खोस भोगता.

खरें म्हळ्यार हो नजरंय गांव न्हय. तो एक शिर्धनचोच वाडो जावंक जाय. थंयच्या उड्यार जिजस नाजारेथचें कपेल आसा म्हणुनूच त्या वाड्याक नजरंय नांव पडलां आसूं ये!

तरी थंयच्या आब्रिलाक जावपी पुरूमेंताच्या फेस्ताक लागून तो गांव बरोच फामाद आसा. नजरंयचें फेस्त म्हणल्यार आदले तेंपार फामाद आसलें. तशीं लागसारच्या गांवांनी फेस्तां जातालीं. पूण हांगा व्हडली गर्दी जाताली ती जिजस नाजारेथाक लागून. दुसरी गजाल म्हळ्यार फेस्ताक गेल्ल्यांक उकड्या तांदळांची पेज वाडपाची वेवस्ता थंय आसा. प्रसाद म्हणून पेज जेवपी भावीक थंय आजूय पळोवंक मेळटात. हे पेज्जेक पेसांवांची पेजूय म्हणटात. लोक उपाशीं उरचे न्हय म्हूण भाटकारान पेज्जेची वेवस्ता केल्ली.

रस्त्याच्या पोंताक, उड्याच्या पांयांकडेन गजेंद्रान गाडी पार्क केली. दोगांचींय पावलां चडटी चडूंक लागलीं. देवा पांयांकडेन वचूंक हे पांय कास्तीग घेताले.

तीं दोगांय आतां कपेला मुखार पावलीं. हें कपेल दर्याक फाट आनी गांवाक फुडो करून आसा. कपेलाचो फाटलो वांटो गोलाकर आनी ताचेर काळो खुरीस दर्याक पळेतालो.

कपेलाक भोंवताडो घालपाक थंय वेवस्ता आसली. कपेला फाटल्यान उड्या धडेर, सुळसुळीत लोखणां पायपांचो शेर्क उबो केल्लो. ह्या शेर्काच्या आदारान, गजेंद्र आनी दुर्गें दर्याक पळेत उबीं रावलीं.

सांजेचीं पांच जाल्लीं. जोडपें जे सुवातेर उबें आसलें, ती सुवात

अप्रतीम आसली. सामकाराक दर्यो पातळिल्लो. दर्याचीं ल्हारां आपले धवेफुल्ल दांत दाखयत दर्यानूच तयार केल्ल्या संगीताच्या तालार संथ गतीन धालो खेळटालीं.

दर्या पलतडीं पयस सो पांचवोचार वाठार. तातूंत अस्पश्टशीं रंगयाळीं घरां, सपनांतलीं कशीं.

उजवे वटेन पयस आनी पयस दोन देगो दर्शन घडयतात. एक वास्को–हार्बर आनी दुसरी दोनापावल!

"कोणूय शिर्धनचे देगेवेल्यान चलत गेल्यार दोनापावल पावतलो न्हय?" दुर्ग्यान गजेंद्राक प्रस्न केलो.

"हय, दोनापावल सावन वास्को–हार्बर वचूं येता. फुडल्या आयतरा या आमी." गजेंद्रान आश्वासन दिलें.

घोव–बायल दोगांय कठड्याचेर पेज घालून उबीं आसलीं. उजवे वटेन आशिल्ली मेकळी दिका दोगांचेरूय वाऱ्या मारो करताली. दुर्ग्याचे केंस हुबून गजेंद्राच्या दोळ्यां वांगडा खेळटाले. साडयेचो पदरूय त्या खेळांत वांटो घेवंक धडपडटालो.

वाऱ्याचो मारो इतलो खर आसलो की, दुर्ग्याच्यान तो सोसूं नज जालो. तें थकलें. ताची मान अचळय गजेंद्राच्या खांदार लवंडली.

"उबगण आयली गो? या?" दुर्ग्याल्या केंसार हात ओडीत गजेंद्रान प्रस्न केलो.

"म्हाका उबगण येवं ना. तुका जाय जाल्यार बसुया थोडो वेळ. वारेंय थंड बरें सुटलां. णवांक लेगीत मडगांवां पावल्यार पुरो."

"हय मगो, तशें जाल्यार बरें आसा. म्हाका जाल्यार हें थळ कशेंच सोडीन शें दिसना. हांगाच एक खोपटी घालून, तुजे वांगडा कायमचेंच रावनशें दिसता."

खरें म्हणल्यार गजेंद्र कांयच चुकीचें उलय नासलो. मडगांव सारक्या शारांत ताचो जीव घुस्मट्टालो.

हो घुस्मटमार एकट्या गजेंद्राचो नासलो. मळबाक तेंकपाची सर्त

करपी सिमेंट-कॉंक्रिटच्या गडगंज इमारतीच्या बंगल्यांत रावपी सगळ्याच गिरेस्त लोकांचो आसलो.

आयज हे लोक करोडांनी रूपये खर्च करून शारांनी बंगले बांदतात आनी स्वताक व्हडले गिरेस्त समजतात. पूण ह्या फुडें गिरेस्तकायेची परिभाशा बदलपाची आसा. खोपट्यांनी रावपी मनशांक गिरेस्त म्हणपाची वेळ आतां पयस ना. मात करोडांनी रूपये खर्च करुनूय तांकां एखाद्री खोप मेळटली काय ना, हाचो दुबाव आसा.

हो नजरंय गांव एका तेंपार खोपट्यांच्या गिरेस्तकायेन भरिल्लो. पूण आतां ह्या फुडें मेकळ्या स्वासा खातीर खयीं तरी पळ काडचो पडटलो.

आयज लेगीत हांगाचें फेस्त फामाद आसा. फुडेंय हें फेस्त चालू उरतलें हातूंत दुबाव ना. पूण पेसांवांची पेज चालू उरतली काय ना हाचोच दुबाव! पेज्जेचे सुवातेर विदेशी सोऱ्याचे पाट व्हांवतले. खारव्यां -रेंदेरांचीं कातारां आयजूच आयकूंक मेळनात. फुडें तीं गावपाक खारवी रेंदेर उरचे नात. माडूच कापले तर रेंदेर खंय उरतले? पोनेळ आनी जाळांच नश्ट जालीं तर खारवी कशे आसतले?

हां! दर्या गीत गायतलो. पूण आयकूंक कान उरचे नात. मनशांचीं पातकां वाडत रावलीं, तर नजरंय आनी शिर्धनय उरचें ना.

फुडें कितें जायत तें जायत. मनशांच्या कर्मानी फुडें कितें वाडून दवरलां हें कोण सांगतलो? पूण आयज मात थंय आस वावुरता. दर्याचे देगेर, उड्याचेर बसून आशिल्ली इगर्ज काय कपेल कितें तें थंयच्या लोकांक धीर दिता. पूण स्वता मात दचकून-दचकून जियेता. एके वटेन ताका जमनीचो तेंको आसा. पूण दुसरे वटेन दर्या ताची बसका पोखरीत आसा. पातकी लोकांनी ताच्या लागसारचीं झाडां-पेडां कापून सुवात बोडकी केल्या. शेकीं ते आपल्याचेर गुळी हाडिनात मू? सुवार्थाक लागून हे लोक आपल्या आवय-बापायक, भाव-भयणांक लेगीत विकून खावंक फाटीं फुडें सरचेनात, हाची जाणिविकाय त्या कपेलाक जाल्या.

अजून थंय आस वावुरता म्हणपाक आनीक एक कारण आसा. नजरंयच्या त्या उड्यावयल्या इगर्जे सामकारा आनी फाटल्यान सैमा खेळ अजून चलतात. परीसर आंब्या-माडांनी नटला. थंयचीं खाशेलीं आदावां अजून तग धरून आसात. फाटलो वाठार दर्यान व्यापला. हो दर्या केन्नाच म्हूण सुशेगाद असो बसून रावना. केन्ना तो गाजता तर केन्ना खळखळटा. केन्ना-केन्नाय तो मस्तेता. मस्तेता तेन्ना उंच उडयो मारता. देगेवेल्या भाटांत शिरपाचो येत्न करता. पूण उड्यावेली इगर्ज ताका तशें करूंक दिना. ती सुस्त आसुनूय ताका धमकायता. दर्या जेन्ना सुस्तेल्लो आसता, तेन्ना तो मनशां भशेन सुशेगाद न्हिदून रावना. आपल्या सान-सान ल्हारांनी धालो खेळटा. आपल्या भशेन तुमीय खेळात, हो ताचो संदेश.

खूबदां आपले देगेर वावुरपी मस्ते लोकांचो त्या दर्याक खूब राग येता. आपल्या विक्राळ ल्हारांनी तांकां ओडून घेवन बुडोवन मारचेंशें दिसता ताका. पूण त्या उड्यावेल्या इगर्जेंतल्या देवाक भिवून तो कांयच विपरीत घडयना. ताकाच लागून दर्या देगेवेलीं मनशां आनी झाडां-पेडां कशेय भशेन तग धरून आसात. पूण जेन्ना मनशां कडच्यान दुश्टपणाचो अतिरेक घडटलो, तेन्ना मात उड्यावेल्या इगर्जेंतलो देव दर्याक वोर्द दितलो, बाबा रे हे लोक आतां जगपाक लायक ना, घे तांकां ओडून आनी उडय गिळून.

एकदां देवाची वोर्द जातकीर दर्याक मागीर रान मेकळें. ताका आडावंक मागीर उड्यार देव रावचो ना. देव ना तर उडोय ना आनी इगर्जूय ना. उपरांत शिर्धन, पाळें, जुवारी, व्हडलें गोंय आनी हेर लागसाराक आशिल्ल्या गांवांतल्या लोकांचें कितें जायत हें कोण सांगतलो? नेण्टे करतात पाप, मागीर कोण दितलो जाप?

ज्या काळखाची वाट गजेंद्र पळेतालो, तो आतां सगळ्या तेर्रार पातळ्ळो. एकेक करून मळबभर नखेत्रां उदेलीं. पलतडच्या दर्या देगांनी दिवे पर्जळूंक लागले. दर्यांत पयस-पयस आशिल्ल्यो बोटी झगमगूंक लागल्यो.

नजरंयच्या लोकांनी उजवाड आसतना आयमोरी म्हणूंक कोमेस केल्ली ती आख्खो गांव काळखान लिपलो तरी चालूच आसली.

दुर्गे आतां उबगल्लें. गजेंद्राक मात ती सुवात सोडून भायर पडचेंशें दिसनासलें.

"गजेंद्र ऊठ मरे, या आतां."

"राव गो मात्शें. मळबा खाला दर्यार कितें चल्लां तें पळे. मडगांवां हें अशें पळोवंक मेळटा तुकां?"

"मेळूं नाका, आई हुस्केतली."

"जावं, आई हुस्केतली! आईक चड पडलां आमचें."

"पडलां म्हणचे, पडलांच. कितलीय जाली जाल्यार आई ती तुजी. आतां कांय बाबतींत तिचें चुकलां आसूं ये. पूण तिची माया खंय वतली? मायेक लागून हुस्को हो जातलोच न्हय!"

गजेंद्राक दिसतालें, आपले आवयविशीं कितेंय वायट उलयल्यार दुर्ग्याक आवडटलें. चडश्यो सुनो मांयचेर जळटाच. हांगा जर कोण कोणाचेर जळनासतना जुळोवन घेतात, तर हांच्या मदें आपूण कित्याक पडूं!

ह्या विशयाचेर गजेंद्रान दुर्ग्याकडे भासाभास करपाचें टाळ्ळें. ताणें बोल्सां सासपून गाडयेची चावी पळेली. मोन्यानी उठून लागलो चलूंक.

"आरे राव."

"आतां आनी कितें उल्लां?"

"देवाक पायें पडटां."

"तो कोंकण्यालो देव न्हय."

"खबर आसा म्हाका. मनशांलो देव तो."

"पांयां पडून कितें सादपाचें आसा!"

"आनी ना पडुनूय कांयच सादचेलें ना."

"मागीर वेळ फुकट कित्याक घालयता?"

"मागीर पांच ते हो मेरेन कितें मेळयलें?"

‘‘खोस आनी समाधान.’’

‘‘मागीर म्हाकाय तेंच मेळोवपाचें आसा. येदो वेळ आमी ह्या देवाच्या आदारान हांगा बसल्यांत. आतां हांगच्यान सुखरूप परत वतना, ताचे पांयें पडून गेल्यार म्हजें आनी तुजेंय कांयच लुकसाण जाय सारकें ना. हे इगर्जेंत देव आसा काय ना, ह्या वादांत म्हाका पडपाचें ना. आसल्यार तो म्हाका पावतलो. नासल्यार हांवें म्हजें कर्तव्य केल्ल्याचें समाधान म्हाका मेळटलें.’’ इगर्जे मुखार रावन दुर्ग्यान आपले पद्दतीन नमस्कार केलो. ताचे ओंठूय हाल्ले.

आपल्याक जाय तें देवाकडे मागलें म्हूण देव तें दिवचोना ही दुर्ग्याक खबर आसली. तरी आपूण ल्हान जावन खंयचेय अव्यक्त शक्तीमुखार हात जोडल्यार आपल्या मनाची उंचाय वाडटा, हेंय तें जाणा आसलें.

गजेंद्राक मात खूबशो करण्यो अर्थहीन आनी पिशेपणाच्यो दिसताल्यो. तरी तो ताच्या आड येनासलो. तें कितें करता तें करूं दी म्हूण मात्सो पयस उबो रावन ताची वाट पळेत रावलो.

नजरंय-शिर्धनच्या काळ्या किट्ट काळखांतल्यान मनांतलो उजवाड घेवन तीं दोगांय आतां मडगांवां पावलीं. बंगल्यार पावतांच दोगांकूय फुगासांव जाताशें दिसलें. बंगल्यावेल्या दिव्यांचो लखलख, पंख्याचो नकली वारो, टीव्हीवेलो तकलीफोडो आवाज तांच्यांनी कसोच सोसूंक जायना जालो. सैमीक वातावरणांतल्यान आयिल्ल्यान, हें मानवनिर्मीत वातावरणांतले मोव सोफा तांकां त्रासीक दिसूंक लागले.

‘‘जेवतात मरे, काय कितें खावन बी आयल्यांत भायर.’’ काशीबायन फाटल्या अणभवा वरवीं विचारलें. हालीं हालीं वेळो भोवन येता आसतना तीं, फायव स्टार हॉटेलांत भितर सरून कितेंय ना कितें मचमचीत खावनूच उसरां घरा येतालीं. दुर्ग्याक हॉटेलांतलें जेवण-खाण आवडना तरी हे बाबतींत तें पतीव्रतेचें सवंग वटयतालें.

‘‘जेवण बिवण कांय नाका गे आई. येता आसतना व्हडल्या गोंयच्या खुर्साकडे गाडी थांबोवन मस्त पयकीं दोन-दोन आडसरांचें उदक

पिल्यांत आमी. तुकाय हाडल्यांत दोन, रत्याक हाडूंक लाय गाडयेंतलीं.''

''दूद तरी पितलो मरे?''

''दूद बीद कांय नाका. म्हाका केन्ना काय हातरूणार पडनशें दिसता.''

लग्न जायत सावन गजेंद्र दुर्ग्याक घेवन भोंवत आसलो. गोंय आनी भारतांतलीं सगळीं फामाद थळां तांणीं भोवन काडल्यांच, ते भायर युरोपांतलीं कांय तेरांय भोंवून काडिल्लीं. फुडल्या दोन वर्सांत आख्खो संवसार पांयां पोंदा घालपाची मोख आसली गजेंद्राली!

दुर्ग्याक मात कंटाळो आयिल्लो भोंवड्यांचो. पूण भायल्यान तें कांयच दाखोवन दिनासलें आपल्या घोवाक. घोवान आपली इत्सा उलोवन दाखोवची आनी बायलेन हयकारी तकली हालोंवची अशेंच चलतालें दुर्ग्या-गजेंद्रामदें. पूण दुर्ग्याक मात रावून-रावून दिसतालें की आपूण खंय तरी चुकतां. अशेंच होयबा जावन रावलें जाल्यार आपूण आपल्या कर्तव्याक चुकतलें, ते भायर घोवाकूय निश्क्रीय आनी बावळट करतलें.

दुर्ग्याक आपल्या कर्तव्याची जाणविकाय आसलीच. पूण आपूण कर्तव्यदक्ष रावल्यार, घोवाच्या मता आड वचचें पडत जाल्यार? मांयक दुखोवंचें पडत जाल्यार? एक घरकान्न खंयच्याच घरवांगड्याक दुखोवन घर बरे तरेन चलोवंक शकना. ताका लागून दुर्गें आयज मेरेन जणेकल्याचें मन राखुनूच फुडें वतालें. बऱ्याची-निटायेची तुस्त आनी वायटाकडे आडनदर करून, कोणाक दुखयनासतना आपल्या संवसाराचो गाडो चलोवंक सोदतालें दुर्गें!

पूण आतां ताच्या लक्षांत आयलें की हातांत भरपूर दुडू आसल्यारूच संवसार बरे तरेन चलना. घरवांगड्यांच्या मनांचो वेगळो-वेगळो संवसार आसता. जणेकल्या मनाच्यो गरजो वेगळ्यो आसतात. त्यो दुसऱ्याक सांगून कळटात. एका मनाच्यो गरजो समजून घेवपाची ताकत दुसऱ्यांक आसत जाल्यारूच तें साध्य जाता.

तशें पळोवंक गेल्यार दुर्ग्याक खाशेलीं अशीं देर-नणंद बी कोण नाशिल्लीं. घरांतल्या कामवाल्यांक त्रातार करपाक व्हडलेंशें कांय दिसनासलें ताका. सोयऱ्यांधायऱ्यांचेंय येवप-वचप वाडिल्लें. तांकां निभावन व्हरपाक काशीबाय आशिल्लीच. पूण दुर्ग्या मुखार व्हडलो प्रस्न आसलो तो मांय-घोवाचो. तांचे मदें सुसंवाद घडोवन संवसार-न्हंय बिनदिक्कत हुपपाची आसली ताका.

काशीबाय सगळें विकतें हाडूंक शकताली, पूण नातरां न्हय. आपल्या वांगडा खेळपाक नातू जाय, अशें तिणें कांय दिसां पयलीं सांगून दवरिल्लें. ती तिची खरेली गरज आसली. हें वय तिचें भुरग्यांक खेळोवपाचेंच आसलें. भुरगीं, तींय बी आपल्या पुतालीं. पूण गजेंद्राच्या लक्षांत तें कशें येनासलें? आपले आवयक, आपले बायलेक तो सैमीक सूख कित्याक दिनासलो? कृत्रीमतायेचो आदार कित्याक घेतालो?

दुर्ग्यान जर म्हणिल्लें, की आपल्याक भुरगें बेगीन नाका तर काशीबाय आपल्या पुताक मात्तूय दोश दिवची नासली. पूण दुर्ग्याच्या हालचालीवेल्यान तर तशें कांयच दिसून ये नासलें. तेन्ना ही चूक मुजरत घडोवन हाडटा तो आपलो पुतूच, अशी काशीबायची समजीकाय जाल्ली.

आपलो पूत सुवार्थी. तो स्वता पुरतोच विचार करता. ताका बायलेचें कांयच पडिल्लें ना. आवयचें तर नाच ना!

दुर्ग्याच्याय मनांत अशीच पाल चुकचुकताली. ताणें जर मनांत हाडिल्लें तर तें आतां आवय जावपाचे वाटेर आसतलें आसलें. पूण गजेंद्राच्या चेपणाखाला येवनूच तें आवयचो दर्जो घेवंक फाटीं सरतालें.

लग्ना आदीं गजेंद्रान दुर्ग्याक उलोवन दाखयल्लें-

"जाणा दुर्ग्या, हांव तुजेर खूब मोग करतां. लग्ना उपरांत हांव तुका दुख्खापसून चडांत चड पयस दवरपाचो येत्न करतलों.... हांव जाणां..." गजेंद्र मात्सो थांबलो. गोंदळ्ळ्या भशेन जालो.

"थांबलो कित्याक? उलय मरे!"

“हांव जाणां, आतांच्या बायलांक ‘चूल आनी मूल’ सांबाळूंक आवडना. चूल कोणाच्यानूय सांबाळूंक जाता. पूण ‘मूल’? तें सांबाळपाची ताकत म्हज्यांत ना आनी तुजे इत्से आड तुवें मातृत्व स्वीकारचें अशेंय म्हाका दिसना. तुजी तशी इत्सा आसलीय जाल्यार, चार-पांच वर्सां उपरांतूच आमी दोगांचेय मान्यतायेनूच भुरग्याचो विचार करचो.”

दुर्ग्याच्या मनांत कितें आसा, हाचो थाव घेनासतनाच गजेंद्र भरभरीत उलोवन मेकळो जालो. “तुजी इत्सा आसलीय जाल्यार...” हें वाक्य दुर्ग्याक आवडलें ना. ताची अहंता जागी जाली. आनीक कोणूय बायल जाल्यार खिणांत पाडसभर उसळटली आसली! म्हणटली आसली, ‘सगळें तूंच थारावन मेकळो जालो मरे? म्हाकाय मन बीन आसा, हें खबर ना दिसता तुका!’ पूण दुर्गें कांयच उलयलें ना. तें गजेंद्राक पुराय वळखतालें. हाचे पयलीं खूबशा विशयांचेर उलोवणीं जाल्लीं तांचीं. गजेंद्राचेर ताचो पुराय विश्वास बशिल्लो. तो जें कितें उलयता तें बऱ्याचेंच उलयला. तें पुराय सत नासलें तरी दुर्ग्याच्या हिताचें आसा अशें गजेंद्राक दिसतालें. त्याच पासत दुर्गें हो वेळ मेरेन मन मारून आशिल्लें.

पूण आतां मात दुर्ग्याक आपल्यो भावना दामून दवरप कठीण वचूंक लागलें. तें जेन्ना एकांतांत बसून आसतालें, बाज्जेर पडून आसतालें तेन्ना तें आवय जावपाचींच सपनां पळेतालें. एक सानुलो गुटगुटीत गजेंद्र ताचे वेंगेंत खेळटासो दिसतालो. ह्या गुटगुटीत बाबुल्याक घेवन काशीबायक तर खंय बसूं खंय नाका अशें दिसता. घरांतलीं कामवाल्यां तर ताका जमनीर दवरूंकूच तयार नात. घरभर खेळण्याच्यो राशी. कोण तेल लायता. कोण न्हाणयता. कोण खांदार घेवन भोंवता. कोण गीतां गायता. कोण गालगुच्चे घेता. कोण खातकुतल्यो करता. तातूंत बाबुल्याचें किल्लसप आनी हांशें. घरभर खोशी. कोणाक खाणा-जेवणाचें पडिल्लें ना. पडलां तें फक्त बाबुल्याचें.

सगळ्यांच्या तोंडार हांशें खेळटा आसतना, गजेंद्राच्या तोंडार मात

काळोख. गजेंद्राच्या मत्तान हो बाबुलो नाका त्या वगतार भितर सरिल्लो. ताका लागून दुर्ग्याचें लक्ष गजेंद्राचेर मात्तूय नासलें. अशें घडटलें हें गजेंद्र जाणा आसलो. ताकाच लागून हो बाबुलो बेगीन घरांत आयिल्लो नाका आसलो.

दुर्ग्याक मात हें चित्र सुखदिणें आसलें. परत-परत पळेनशें दिसतालें. पूण ताका फाव तसो एकांत मेळ्ळ्यार मू?

एक दीस तीं दोगांय पणजे सावन मडगांवां वचूंक भायर सरलीं. गजेंद्राक फोंडे मार्गान मडगांवां वचूंक मानवता. कारण वाटेर खूबशीं झाडांपेडां आनी दोंगर लागतात. धांवत्या बशींतल्यान सैमाचो धांवतो नियाळ तरी करूंक मेळटा. धाकटे गाडयेंतल्यान कांयच पळोवंक मेळना. चलोवपाक वेगळो ड्रायवर आसलो तरी!

ह्या दिसांनी पणजे ते म्हाड्डोळ मेरेन वाटेर घरांचो कचकच आनी लोकांचो गजबज. म्हाड्डोळ ते फार्मागुडी मेरेनचो वाठार मात दोंगराळ आनी झाडांपेडांनी दाटिल्लो. खयीं गाडी थांबय आनी कर सैमनियाळ. पूण गजेंद्राक रस्त्यावेल्या गाडयांचो घरघर मात्तूय सोंसना जाल्ल्यान ताणें गाडी एका अशीर रस्त्यान भितर घेतली.

गजेंद्र मात्सो फुडें गेलो. चारूय वटयां शांतकाय आनी शांतकाय, रस्त्या कुशींनी घर ना दार. ना सायकल ना गाडी. उजव्या वटयां वयर-सकल पालसण. पालसणाचेर दाटयेन वाकडीं तिकडीं काजू झाडां. आंगान काळशीं.

दावे वटयां माडयां-केळंब्यांनी भरिल्लें थंड-सावटें कुळागर.

गजेंद्रान गाडी थांबोवन रस्त्या कुशीक पार्क केली. गाडयेंतल्यान तीं दोगांय भायर आयलीं. हुप्प-हुप्प करून एका माकडान आनी चिकू-चिकू-चीक करून कितल्याशाच चानयांनी तांकां हुनहुनीत येवकार दिलो.

गजेंद्र आतां गाडयेंतल्यान देंवलो खरो, पूण तो थंय कित्याक आयलो आनी थंयच कित्याक देंवलो हें तोच नकळ जालो. पिसो कसो तो डामरी रस्त्यावेल्यान पावल्यो मारीत रावलो. नदर मात ताची

सरभोंवतणच्या रूखावळीचेर आसली. ताच्या पांयांकडे पातळिल्ल्या काजू मुट्टट्यांचें भान ताका मात लेगीत नासलें. बुटां पांय मुट्टट्यांचेर पडून ते फुट्टाले आनी तांचो रोस पच्च करून भायर उसळटालो. तो रोस कालसांवांचेर शिंपडून तें खतावतालें. ताची जाणविकाय ताका मातूय जायनासली.

आनी दुर्गें कितें करतालें? ताचो घोव पिशाभशेन चलता तें भेंडार हात धरून पळेत आसलें. ताका सैमनियाळ करूंक आवडटालें. पूण घाळ रावून न्हय.

''गजेंद्र, बसुया रे खंय तरी, उबें रावून पांयें दुखले म्हजे.'' दुर्ग्याच्या आवाजान गजेंद्र भानार आयलो. ताणें फाटीं वळून पळेलें. दुर्गे आपल्या पसून खूबूच पयस आसा. ताकाय बरिशी सुवात पळोवन बसचेंशें दिसलें.

''राव गो दुर्ग्या. बसूंक सुवात मेळटा काय पळेतां.''

''हांव गाडयेंत बसतां रे, लॉक काडून दी.''

''नाका गरमेंतलें.'' गजेंद्राच्या मनांत आयलें कुळागरांत देंवचें. पूण वाट नासली. आकाडो आसलो. पूण तो खूबूच अशीर. आड्या वयल्यान गजेंद्र वचूंक शकतालो. पूण दुर्ग्याक तें शक्य नासलें.

गजेंद्र पालसणाची वाट सोदीत तसोच मात्सो फुडें गेलो. ताका वाट सांपडली. पूण ती काट्यांनी बंद केल्ली. त्यो चुन्नीच्यो सुक्यो कांटयो ओडपाचें धाडस गजेंद्राक जालें ना. तो कांय वेळ थंयच घुटमळ्ळो. ती सुवात सोडून दुसरेकडे वचनशें दिसनासलें ताका.

कुळागरांतले चडशे वावुरपी आपले भितरूच आसतात. ते खंय झिलींनी ना तर व्हाळा देगेवयल्या अणशींनी बी आसत हें कोणाक कळना. वाटेवेल्यान कोण येता-वता हाचेरूय तांचें मुजरत शिंतीदूय आसना. आपलें काम बरें आपूण बरो, अशें आसता तांचें.

तें कुळागार आसलें नोन्यालें. नोनो कुळागरांत काम करतालो, पूण तो खंयच्या कोनशाक आसा, हाचो वास कोणाक लाग नासलो.

रस्त्यार तांबड्या रंगाची गाडी थांबल्या ती नोन्यान पळेली. थांबतात

तशे ड्रायव्हर मुतूंक बी. हो वाठारूच असो, की कोणेंय येवचें आनी खयींय मुतचें. कोणाची लज ना भीड!

पूण ही गाडी तें काम करूंक थांबूंक नासली. तशें आसलें तर गाडयेंतलीं मनशां आपलें काम करून पळटलीं आसलीं. हीं तर केदो वेळ जालो थंयचे थंयच घुटमळटालीं. हीं मनशां शेर्त अडचणेंत पडल्यांत. नोन्यान वेळ केलो ना. ताणें मुंजींतलें कोयतूल हातांत घेतलें. धावशींतल्यान, अणशींतल्यान सपासप वाट काडीत तो रस्त्यार आयलो. माथ्याक तुवालो रेवडायल्लो, आंगार रेबटाळ्ळें आनी घामान ओलेंचींब जाल्लें बानयेन, कुल्यार कपयाळें केल्लें अर्दकुटें काल्सांव असल्या भेसांतलो नोनो किडेल्ले दांत दाखयत गजेंद्रा मुखार उबो.

''बाब, कितें जालें?''

''कोणाचें?''

''माझें न्हू, तुमचें. येदो वेळ घुटमळटात म्होणोन येयलो धांवोन.''

''तूं कोण?''

''हांव नोनो!''

''हें कुळागर तुगेलें?''

''आनी हो दोंगोर कोणालो तर?''

''म्हाका कशें कळटलें?''

''सगलें म्हागेलें. कितें अडलां तें पळोवया म्होणोन येयलां हांव. कोणाकूय अडे-अडचणेक पावोंक जायो न्हो?''

''हांव मडगांवचो गजेंद्र नायक.''

''अशें-अशें. तूं नायक आनी हांवूय नायकूच.'' नोन्यान रोकडेंच नातें जोडलें.

''नोनेबाब, म्हाका हो तुमचो वाठार खूब मानवलो. म्हाका तो थोडो वेळ पळेत रावन सो दिसता. पूण बसतलीं खंय? वयर पालसणार बसल्यार खालाचो सगळो वाठार पळोवंक मेळटा. पूण वयर वचपाची वाट काठयांनी आडायल्या. ताका लागून....''

“इतलेंच न्हू? कांय भियों नाका. हांव वाट उक्ती करून दितां. जाय तितको वोगोत बोसात आनी वोसात. मागीर हांव आहा न्हू, करतां वाट बोंद.” नोन्यान खिणांत वाट उक्ती करून दिली. गजेंद्रान बोल्सांतली पन्नास रूपयांची नोट भायर काडली. नाका नाका म्हणत नोन्यान ती घेतली. घेतली म्हणचे परस गजेंद्रान ती ताच्या हातांत चोंदलीच. गजेंद्राक पन्नास रूपया म्हणल्यार कोयर, पूण नोन्याक ते व्हडले आसले.

गजेंद्र दुर्ग्याक घेवन कसरत करीत पालसणार गेलो. थोड्याच अंतरार आपले खांदे पसरून व्हडल्या घेऱ्याचें काजूचें झाड आसलें. मुटठ्यांनी, तुरमणांनी, बिब्यांनी आनी फोकांनी भरिल्लें. तें काजूचें झाड गजेंद्र-दुर्ग्याक येवकार दिवंक उबें आसा अशें दिसलें गजेंद्राक! काजूचो खांदो वांकडो जावन जमनीकडे अशे तरेन बागवल्लो की ताचेर कोणूय बसलो तर ताचे पांय जमनीक तेंकचे.

गजेंद्र आनी दुर्गे वचून त्या खांद्यार बसलीं. व्हंकल आनी न्हवरो सव्यार बसनात? तशीं!

“व्वा! सुंदर!!” मुखावेल्या कुळागराचेर नदर मारीत गजेंद्र उद्गारलो. असल्या वेळार ताका जाप दिवपाचें धाडस दुर्ग्यान केलें ना. गजेंद्राक तें आवडना हें तें जाणा आसलें. तो जेन्ना ‘व्वा!’ म्हणून सैम आपल्या अंतर्मनांत साठोवंक कोमेस करता, तेन्ना म्हऱ्यांत दुर्गे बसलां तें विसरता. तरी दुर्ग्यान आपल्या म्हऱ्यांतलें हालचें न्हय, अशी ताची इत्सा आसता. आनी जर दुर्ग्यान ताचो सांगात सोडपाचो मात्सो तरी येत्न केलो, ताची समाधी भंगलीच म्हूण समजपाची.

आतां दोन कुडी एकमेकाक खेटून बशिल्ल्यो तरी तांचीं मनां मात एकमेकां पसून खूब पयस गेल्लीं. गजेंद्राचें मन सरभोंवतणच्या सैमांतले बारकावे मनसोक्त घोटून घेतालें.

दुर्ग्याचें मन मात सैरभैर जाल्लें. केन्ना तें आपले सासूमांय भोंवतणी मूस कशें उडटालें, तर केन्ना आवय-बापायच्या सांगातान संवसारीक सुखा-दुख्खाच्यो गजाली करतालें. पूण चड वेळ तें फुडें जल्माक येतल्या

काल्पनीक भुरग्या वांगडा खेळटालें.

दुर्ग्याचें मन भोंव भोंव भोंवलें आनी थाऱ्यार आयलें. गजेंद्र अजूनय पिसो कसो जावन बशिल्लो. तो कितें कितें आपले तकलेंत साठयतालो देवाक खबर. दुर्ग्याकडे मात संवाद सादपाक सैमांत खूब कितें आसलें.

रस्त्याचे सकलेवटेन कुळागरांत एके थंड सुवातेर एक भलेंमोठें पणसा झाड थाण मारून उबें आसलें. ताच्या आंगा-खांदार पांचवे-पांचवे ल्हान-व्हड पणस लांबताले. दुर्ग्याची नदर सहज त्या पणसार गेली. दुर्गे पणसांनी भरिल्ल्या त्या पणसाक केदो वेळ पळेत रावलें. एक बायल आपल्याक टक लावन पळेता तें पळोवन पणसांतलो आत्मो जागो जाल्ल्याचो दुर्ग्याक भास जालो. पणस दुर्ग्याक पळोवन पानांतल्यान हांसलो.

"कितें बाये हो पणस मनशांभसेन हांसता?" दुर्ग्यान मनांतल्या मनांत म्हणलें.

"दोगांच आयल्यांत? भुरग्यांक बी हाडूं ना?" पणसालीं उतरां दुर्ग्याल्या कानांत रिगलीं. तें अजापलें. पळे जाल्यार आवाज पणसा वसल्यान येतालो. दुर्ग्यान पणसाचेर नदर थिरायली. पणसाचें पानान पान दोळे मिचकावन दुर्ग्याचे जापेची वाट पळेतालें. दुर्ग्याक कळून आयलें, हो पणसबाब आपले जापे बगर वोगी बसचो ना. दुर्गे उलयलें-

"आमगेर भुरगीं जालीं नात अजून." दुर्ग्यान निर्शेवन जाप दिली.

"जालीं नात? कित्याक? तुमी येदीं व्हडलीं जालीं आनी भुरगीं ना म्हणल्यार अजाप म्हणपाचें."

"आमगेर जावपाचीं पूण आमी फुडें धुकल्ल्यांत."

"जावपाचीं आनी फुडें धुकल्ल्यांत? जायनासताना फुडें कशीं धुकल्लीं तर तीं!" दुर्गे मात्शें गोंदळ्ळें. कितलोय जाल्यार पणस तो पणसूच. हाका मनशांची भास कशी समजतली!

"आमचें मनशांचें तशेंच आसता. तें तुका समजुचें ना." दुर्गे पुटपुटलें.

“समजना तेंच बरें आसा. आमकां समजून घेवपाचो प्रस्नूच येना. आमचें सगळें उक्तें. घडूंक जाय तें वगतार घडटा. आपसूक कळत नकळत. आतांच पळे, म्हज्या आंगार कितलीं भुरगीं सुस्त पडून आसात तीं. तांचो बापूय हांव आनी आवयीय हांव. आडबऱ्यांच आसुनूय तांचें पालन-पोशण हांवच करतां. तुमी मनशां जशीं भुरग्यांक आंगार पिवयता पळे तशीं.”

पणसबाब कितें म्हणटा तें दुर्ग्याक पटलें. दुर्ग्याली एक इश्टीण एक वर्स पयलीं बाळंत जाल्ली. ती आपल्या भुरग्याक गरज आसुनूय आपलें दूद कशेंच दी नासली. दोतोरान सांगुनूय बी. कारण आंगांतलें दूद भायर पडल्यार ती अशक्त जातली, हो समज. ते भायर ती ‘फिगर मेंटेन’ करताली.

दुर्ग्यान चिंतलें, हो पणस आपल्या शेंकड्यांनी पणसांक आपले कुडींतलें अन्न दिता. तेंय वर्सान वर्स, तरी तो ठणठणीत आनी सुखान जियेता.

दुर्ग्याची नदर मागीर ताचे सरभोंवतणी आशिल्ल्या भिण्णी, काजू आनी आंब्यांचेर पडली. हे सगळे रूख फळांनी भरिल्ले. ते वेळार फुलताले, फळटाले आनी झडटाले. सुखान जगताले. वारें-वादळ, पावस-वत आनी थंडी-गरमी कित्याचीच पर्वा करिनासले ते रूख! देवान तांकां जल्माक घाल्यात, देव तांची राखण करतलो, हे भावनेच्या आदारान काळजी विरयत जगताले हे रूख!

काळजी करपा सारखें तांच्या हातांत आसलें तरी कितें? ‘ठेविले अनंते तैसेच रहावे’ अशी तांची गत. एखाद्रो खांदो फळांनी भरलो तर एक दीस तो तुटून पडचो. तोय देवाचे इत्से वरवीं.

रूखाक खबर आसता, आपलो एक खांदो फळांनी भरला. एक दीस तो पेजान तुट्टलो. पूण तो रूख कोणाकडे कागाळ करूंक शकना. रूखा राखण्याक तें कळटा. पूण तो राखणो सुवार्थी. फळां जून जावपाची वाट पळेता. पूण फळां जून जावचे पयलींच खांदो मोडटा. रूख सुट्टा

आनी राखणो रडटा. रूख खोशेता आनी मनीस निर्शेता.

अशें तरेन सैम कोणाक केन्ना आनी कशे तरेन गिन्यान दीत हें कोणाच्यान सांगूंक जायना. दुर्गे खंयचें? ताचो घोव ताका गाडयेंत घालून खाचींत कसो हाडटा? घोवाचें मन दुसरेचकडें गुंतिल्लें आसतना एक पणस आपल्या भुरग्या बाळां सयत दुर्ग्याच्या मनांत शिरता, हें दुर्ग्याक अपरूप आनी विचित्रशें दिसता.

दुर्ग्यान चितलें, पणसाचें पणसपण-ताचें शाणपण-मनशाक उपकरचेलें ना. पणसाची जात वेगळी. मनशाची वेगळी.

पणसाचे जातींत लग्न-बारसो बी तसलें कांयच आसना. घोवूय तोच आनी बायलूय तोच. आवय तोच आनी बापुयूय तोच, पणसाक सासूमांय, देर-नणंद बी नातीं-गोतीं आसनात. तेन्ना पणसाचीं शाणेपणां मनशाक कोता येवचीं नात.

मनीस आतां कितलो सुदारला, तोय स्वताचे बुद्दीच्या बळग्यार, हें एकेच सुवातेर उबे रावून मनशांक शाणेपणां शिकोवप्यांक कशें कळटलें? कोण सांगतलो तांकां मनशांचें व्हडपण?

दुर्ग्याच्या मनांतलें चक्र एक सारखें गिरगीरत आसलें.

पूण पणस अंतर्यामी आसलो. दुर्ग्याच्या मनांत कितें चल्लां तें समजूंक त्या दैवी पणसाक कळाव लागलो ना. ताचे दिश्टीन दुर्ग्याचें मन वाकडे दिकेन वतालें. पणस दुर्ग्याचेर उबगलो. ताणें आपलें एक सुकिल्लें पान मस्कऱ्यांनीच दुर्ग्या दिकेन फेकलें. तें पळोवन दुर्गे शिंतीदार आयलें. ताची नदर परत एक फावट पणसाचेर गेली. पणस गंभीरतायेन ताचेकडे पळेतालो. ताचें एक पान लेगीत आतां हालनासलें. ताणें आपलें तत्वगिन्यान सांगूंक कोमेस केलें-

‘‘हे मनीस कन्ये, तुजे तकलेंत कितें शिजता तें म्हाका सांगनासतनाच कळटा. ओगीच बडायो मारूं नाका. मनीसजात कितली सुदारल्या हें आमी बरे भसेन जाणा. तुमी जें कितें चलयलां, त्यो सुदारणो न्हय, आत्मघाताचीं लक्षणां तीं!

देवान आमकां समस्त प्राणी मात्राक जल्म दिला, मर मेरेन सुखान जगपाक. ते पासत जगपाक फाव तीं साधनांय निर्मिल्यांत देवान. पूण तुमकां मनशांक मारला मोद! तुमी देवान घालून दिल्ल्या नेमा आड उडयो मारून ताका सुदारणा म्हणटात. ह्या सुदारणांच्या नांवान तुमी स्वताचो नाश करून घेताच, ते भायर आमकांय गरजे भायर दुख्खांत धुकलतात.

देवान सुकण्यांक पाखां दिल्यांत. तीं मळबांत उडटात म्हूण तुमकांय उडन दिसलें. तुमी विमानां तयार केलीं. मळबांत उडूंक लागले. उडले तें बरें आसा. धर्तरेर बरेभशेन देंवतले हाची खात्री तरी आसा? केन्ना पडत आनी मरत हें सांगू नज. आनी मरतात ते मरतात, बायलां-भुरग्यांक घेवन तुमचीं विमाना आमचेर-पेडांचेर कोसळटात ताचें कितें? तुमकां मरपाचेंच आसा, मरात बाबडे! तुमचो धग आमकां कित्याक? कोणें दिला तुमकां अधिकार आमकां ख्यास्त दिवपाचो? कसलें पातक केलां आमी?

तुमचीं कुकर्मा इतल्यारूच थांबनात. विमानांनी बॉम्ब भरून तुमी तुमच्याच भावां-भयणांक मारूंक धांवतात. मनशांक मारूंक बॉम्ब उडयतात आनी रातचीं रानां लासून उडयतात.

देवान तुमकां मन दिलां, समस्त प्राणीमात्राची राखण करपाक. तुमी तांकां गरजे भायर मारून उडयतात. असल्यांनी देव तुमचें बरें कशें करतलो?

तुमच्यो कॅरेगसाणी दाखोवन दिवंच्यो जाल्यार खूबशो आसात- तुमीं 'फ्रीझ' म्हूण एक थंडाळें तयार केलां. बाजार कितलोय लागसाराक आसलो तरी गरज नासतना तुमी भाजी-पालो आनी फळ-फळावळ हाडून फ्रिझांत भरतात. भाजीपालो फ्रिझांत चड तेंप उरल्यार तांतलीं जीवनसत्वां नश्ट जातात. जीवनसत्व विरयत भाजीपालो आनी फळ-फळावळ खाल्यार मनशाचीं दुयेंसां वाडटात, हाचें मात्तूय भान तुमकां आसना.

तुमी टिव्ही, रेडियो, टेलीफोन आनी अर्विल्ल्या सादनांचो सोद

लायला खरो, पूण तुमचीं तोंडां मात सदांच बाविल्लीं आसतात, आपूण मजेंत आसा हें दाखोवपा खातीर मुजगा तालार उडयो मारतात. पूण खरेपणान तुमी सुखी नात. तुमकां मात्तूय आत्मीक बळ ना. तुमी मनान थकल्यांत, कुडीक सजोवन, शेतांतलीं बुजगावणीं कशीं वावुरतात.''

इतल्यान सळसळीत वारो सुटलो. भिण्णीन भिण्णां झडयलीं. आंबुल्ल्यांनी आंबल्यो झडयल्यो आनी पणसाच्या मताक आपलो तेंको दिलो.

दुर्गें पणसाचें उलोवप मोन्यांनी आयकतालें. आनीक कोणूय जाल्लें जाल्यार उचंबळ जातलें आशिल्लें. तें शाणें आशिल्लें. शाणीं मनशां दुसऱ्याचें म्हणणें शांतकायेन आयकतात आनी गंभीरतायेन विचार करतात.

आपलें म्हणणें दुर्ग्यान मन लावन आनी आस्थेन आयकून घेतलें तें पळोवन पणसाक दुर्ग्याविशीं मात्शें आपलेपण निर्माण जालें. ताणें चिंतलें, ह्या गुणी भुरग्याक आनी दोन उतरां सांगल्यार ताच्याच फायद्याक पडटलीं. ताणें फुडें कोमेस केलें–

''म्हाका दिसता, तूं एक बरें गुणाचें आनी समजिकायेचें भुरगें. तुमचे असलींच भुरगीं मनीस जातीचें नांव वयर काडटात. आतां हांव सांगतां तें लक्ष दिवन आयक. तूं सैमाच्या नेमा वांगडा चल. सैमा आडे गेल्लो मनीस केन्नाच सुखी आसना.''



''म्हणचे हांवें कितें करपाचें?''

''हेच वेळार गुटगुटीत भुरग्याक जल्म दिवपाचो.''

''घोवाच्या मता आड हांव तें करूंक शकना.''

''तशें जाल्यार घोवाचें मत घे.''

''आमी दोगांनीय हे आदींच थारायलां, भुरग्याक आतांच जल्म दिवचो न्हय म्हूण.''

''आतां ना तर केन्ना म्हातारें जातकूच जातलें आवय? तुमची कितें येवजण बिवजण आसा ताच्या आड येवपाची म्हजी इत्सा ना. पूण

जें कितें घडपाचें आसा, तें वेळार आनी आपोआप घडचें अशें म्हाका दिसता.

म्हजो आयज मेरेनचो अणभव तुका सांगतां. ह्या कुळागराचो एक धनी आसा. तो दोन तरांनी म्हज्या भुरग्यांचो इबाड करता. एक तो म्हज्या भुरग्यांक तन्नीच आसतना तोडटा आनी देटाकडेन खुंटी मारून जबरदस्तीन पिकयता. अशे तरेन पिकिल्ल्या पणसांक गोडी खंयची येतली? असल्या कर्मान लोकांकडच्यान गाळी मात खांवच्यो पडटात ताका. दुसरी तरा अशी की खूबदां तो पणस वेळार तोडिना जाल्ल्यान ते कुसून वतात.

धाडोवन पिकयल्ल्या पणसाक जशी गोडसाण आसना तेच परी अवेळार जल्मल्लें भुरगें कुटुंबाक दुखदेणें थारता.''

दुर्गाक पणसालें म्हणणें पटलें. तें आतां गंभीरतायेन विचार करूंक लागलें.

भुरग्यांक जल्म दिवप हो आपलो हक्क. एकाद्रे बायलेन पतीव्रता जरूर आसचें. स्वाभिमान आनी ईश्वरदत्त हक्क कोणाकडे घाण दवरचे न्हय. केन्ना-केन्नाय आपल्या कुटुंबाच्या सुखा खातीर बायलेक एकतर्फी निर्णय घेवचो पडटा. दुर्गान तो घेवपाचो थारायलो.

आतां सांज बरीच जाल्ली. कुळागरी वाठार आशिल्ल्यान सरभोंवतणी चडूच काळोख जाला सो दिसतालो!

येदो वेळ ध्यानस्थ बशिल्लें जोडपें सट्ट करून उठून चालीक लागलें. दुर्गे ते रातीकडेन बेगीनूच जेवन-खावन हांतरूणार पडलें, तेंय कसलींच पिल्लां बिल्लां घेनासतना. आतुरतायेन गजेंद्राची वाट पळेत.

:१०:

एक दीस रत्नें खोशी मुखामळान धांवन आयलें. काशीबायच्या कानांत फुतफुतलें. तिचें तोंड अजापान 'आंऽ' जालें. दोळे विस्तारले. तिच्या दातांचें खावटें येदें व्हडलें आसा, तें रत्न्याक आयज पयलेच खेप कळ्ळें.

‘‘खरें सांगता मगो तूं? काय फकांडां करता म्हातारेचीं?’’ रत्न्याक आपलीं फकांडां करपाचें धाडस ना, हें जाणा जावनूय काशीबाय कितेंय तरी उलोवंक जाय म्हूण उलयली.

‘‘ना गे आयी. शांतादुर्गेच्यान तर!’’

‘‘म्हज्या आदीं तुका कशें कळ्ळें गो?’’

‘‘बाबा आनी व्हनीबाय कुडींत उलयतालीं. हायें दाराकडेन रावोन ज्युस्त आयकलें.’’ काशीबायक दिसलें, आत्तांच्या आतां वचून खोशियेची खबर दुर्ग्याच्या तोंडांतसून आयकुची. पूण तिणें मन आवरलें. रत्न्याक आनी भरीक घालूंक नाका. पळोवया सून इतली खोशयेची खबर सांगता जाल्यार! ती आपल्याक कांयच खबर नाशी करून गप्प रावली.

तरी काशीबायचे पांय एका थाऱ्यार रावंक तयार नासले. पांयूच न्हय, तर सगळें आंगूच चुळबुळूंक लागलें तिचें! सालांतली रांदचे कुडींत, मागीर व्हरांड्यार, थंयच्यान देवा कुडींत. घरभर पासयो मारूंक लागली काशीबाय.

सुनेकडसून आयकूंक मेळटा तेन्ना मेळटा. चोरयां तरी कितें खबर मेळटा जाल्यार पळोवया म्हणून लकतलकत वचून ती दाराकडेन उबी रावली.

तशें करचे पयलीं तिणें देवा म्हऱ्यांत वचून दोनूय पोल्यांचेर थापटां मारलीं. चोरून आयकुपाचें पाप करता म्हूण देवाकडें माफीय मागूंक ती विसरली ना.

खरें म्हणल्यार काशीबायक चोरून आयकुपा सारकें थंय कांयच नासलें. कुडींत घोव बायलेमदें उक्तेपणान उलोवप चलतालें.

‘‘...जालें तें बरेंच जालें गो दुर्ग्या! पूण म्हाका इतलेंच अजाप दिसता...’’

‘‘कसलें अजाप दिसता तुका?’’ दुर्ग्यान गजेंद्राचो हात हातांत घेवन लाडान प्रस्न केलो.

“प्रत्येक बाबतींत सादुरकायेन पावल उकलपी म्हजें लाडकें दुर्गें, हेच बाबतींत अशें घाळ कशें रावलें?” गजेंद्रान दुर्ग्याची नाका तेमशी चिमटेन हालयत म्हणलें.

“हांव घाळ रावलें ना.”

“तरी चुकलें.”

“घडटात अशो मनशाकडल्यान चुको. हे चुकीबद्दल तुका वायट बी दिसलें काय कितें?”

“अजीबात ना. उलट खोशयेन भरलां हांव, तुवें दिल्लो गूड न्यूज आयकून. आतां विसर तो आमी घेतिल्लो थाराव-बिराव!”

“आतां आईक हो गूड न्यूज केन्ना सांगीन सो जाला म्हाका.”

“कोणाचे आईक, तुजे काय म्हजे?”

“पयलीं तुजे, तुजी आई तर सामकी आशेल्ली नातवाचें तोंड पळोवपाक.”

“काशीबायन निमणें वाक्य आयकलें मात, तिका खंयचो नेट आयलो देवाक खबर! धांवली देवा कुडींत. तिणें सगळ्यांत पयलीं दामबाबाल्या मुखामळावेलो उजवाड वाडयलो. मागीर देवाऱ्यांतले आशिल्ले नाशिल्ले सगळे दिवे पेटयले. उजवातींचो आख्खो पुडो पेटोवन, घांटीच्या किणकिणाटान देवा मुखार ओंवाळल्यो. घांटीच्या आवाजान आख्खो बंगलो गाजलो. वातींच्या सुवासान तो घमघमलो.

आपापल्या कामांत गुंथिल्ल्या कामवाल्यांक जाग आयली. घरांत अकस्मात कितें चल्लां काय? देवाऱ्यांत भजन-पूजन बी जावचेलो हो वगत न्हय. बंगल्यावेलीं सगळीं मनशां अजापलीं. एकेक करून चोवकार जमलीं. सगळीं जाणां एकामेकांच्या तोंडाकडें अजापान पळोवंक लागलीं.

हो शांतकायेंतलो बोवाळ गजेंद्र-दुर्ग्याच्या लक्षांत गेलो. चोवकार कितें चल्लां तें पळोवपाक दोगांय गडबडीन कुडिंतल्यान भायर आयलीं. पळे जाल्यार रत्याच्या यजमानपणाखाला मोनी सभा. बंगल्यांतले सगळे

वांगडी एकठांय जाल्यात. तातूंत ना ती एक काशीबाय!

इतल्यान रत्न्याचो जप करीत काशीबाय चोवकार प्रगट!

''जावं बाये! उलो मारिनासतना तुमी एकठांय जालीं, बेस बरें जालें.'' काशीबाय आपले भितरूच बडबडली.

''कितें जालें आई!'' दुर्ग्यान शांतकायेचो भंग केलो.

''कितें जालें काय म्हूण म्हाका विचारता? सूनबाय, म्हातारेन कोंबो धापून घालो म्हूण सकाळ जावपाची उरना आं! सांगतां तुका.'' काशीबाय शिटकावणेचे भाशेंत उलयली.

''खंयचे म्हातारेन कोणालो कोंबो धापून घालो गे! तूं कितें उलयता तें म्हाका बाये कांय समजना गे...''

''बेटेंच पिशें पांगरूं नाका गे, हांव सगळें जाणां. तुका दीस गेल्यात तें हांव नकळऽ अशें दिसता तुका?''

हें उलोवन काशीबाय खू-खू-खू करून हांसली. ती हे आदीं कोणा मुखार अशी केन्नाच हासूंक नासली. ती हांसता ती पळोवन सगळ्यांमदें हांशाचो खळखळ! फकत गजेंद्र आनी दुर्गे सोडून. तीं दोगांय एकामेकांकडेन तोंडां 'आंऽ' करून पळेत रावलीं.

''हांव तुमकां सांगपाचेंच आसलें गे आई. पूण म्हाका अजाप दिसता, हें गुपींत तुमच्या कानार गेलें कशें? हांवें तर तें कोणा मुखार अजून उक्तें करूं ना.''

''हायें कोणा सांगों ना, पयलूं सांगतां.'' रत्नें काचाबूल जालें.

''हांवें तुजें नांव खंय घेतलां गो रत्न्या! ओगीच शिताफुडें मीठ खावं नाका.''

''जावं गे सूनबाय. कितें घेवन बसता. भितोडेक कान आसतात म्हण्टा तें जाणा मगे तूं? बऱ्यो गजाली उलोवंक आनी आयकूंक बरें दिसता. त्यो दारा खाचींतल्यान लेगीत वाट काडून वाऱ्यांत मिसळटात आनी कोणाच्याय तरी कानार आपटतात. तूं घेवन बसूं नाका तें. तूं 'तशी' आसा तें आयकून म्हजें गात्रान गात्र खोशयेन भरलां. बाय रत्न्या,

गोडशें-पक्वान करून वाड बाये सगळ्यांक आनी हें पळे, आतांच्या आतां सोफेराक बाजाराक धाडून दूदफेंणे घेवन यो आनी सगळ्यांचीं तोंडां गोड कर. मागीरचें मागीर.''

काशीबायच्या मुखामळाचेर आयज मेरेन चड करून गंभीरताय पातळिल्ली आसताली, ना तर तिचो चेरो निर्शेल्लो तरी आसतालो. आयज काशीबाय आदली नासलीच. तिचें मन खोशयेन भरिल्लें. आख्खो बंगलो आनी सरभोंवतण तिका सर्ग दिसूंक लागिल्लो.

सदां ती आपल्या भितरूच आसताली. आपल्या भितर म्हणचे परस आपली गिरेस्तकाय आनी अधिकारांत घुसपून गेल्ली ती. आयज ती सगळें विसरून गेल्ली. तिच्या मुखार दुडू दुडू धांवतालो तो गुबगुबीत आनी गुलाबी गालांचो, तांबशा ओंठांचो, काळशा बटांचो, गोरो गोरो पिट्ट तिचो नातू.

तीय आयज भायर-भितर नितळ जाल्ली. नितळ मनाच्या मनशांक देव लागीं करता. देवदूत वाऱ्या रूपान बंगल्यांत शिरलो. तसो तो हे आदींय नेमान बंगल्यांत ह्या दारांतल्यान भितर सरून त्या दारांतल्यान भायर पासार जातालो. काशीबाय घरांत नासल्यार मात तो बंगलोभर खेळटालो, घरांतल्या मनशां वांगडा!

काशीबाय बंगल्यार आसत बी म्हूण तिका चाळोवन घालपाक वारो आयज तयारेन आयिल्लो. पळे जाल्यार ती खऱ्यानीच बंगल्यार आसा. तीय बी विशाल अशा सालांत एकटीच पासयो मारता. अर्रा दियाप! बरी सांपडली. अशें म्हणून वारो पर्थून पयस गेलो. थंयच्यान नेट धरून वादळावरी येवन बंगल्याक आदळ्ळो. ते बराबर बंगल्या जनेलांचें एकान एक दार उगड-धापीत जावन बंगलोभर खडखडाट जालो. वाऱ्याक दिशिल्लें, आपणें आतां बरेंच केलें. काशीबाय आतां रागान तांडवनृत्य करतली. पूण तशें कांयच घडलेंना. वाऱ्याच्या आडांगपणाचो काशीबायचेर कसलोच परिणाम जालो ना. तिचो चेरो पुनवेच्या चंद्रीमावरी अदीकूच उजळून गेलो.

वाऱ्याक हो अणभव नवो आसलो. तो काशीबायक किरमून, झोडपून पळ काडटलो म्हूण आसलो. पूण काशीबायच्यांत घडून आयिल्ल्या बदलान वाऱ्याची मस्ती उणेली. काशीबायचो वांगड ताका सुखदेणो लागलो. ताका तिच्या आंगा-खांदार खेळत रावनशें दिसलें. थोडो वेळ तो थंयच्या थंयच रेंगाळलो. उपरांत वाट मेळत तसो मंद गतीन बंगल्या भायर वचून फुलझाडांनी मिसळ्ळो. तीं ताची आतुरतायेन वाट पळेतालींच.

वारो आतां जणेका फुलाच्या, पानाच्या, ताळयेच्या कोंबरेच्या बी कानाक लागलो. काशीबायच्या बरेपणाची गजाल तो सगल्यांकडे कुचकुचलो, सगळ्यांनी ताका हयकार दिलो. बेटोच न्हय, हालून-धोलून!

जंय जंय बरें घडटा, थंय थंय सैम कोणाच्या आड केन्नाच येना. तें जेन्ना देव जावन प्राणीमात्राच्या फाटल्यान उबें रावता, तेन्ना तें 'तशेंच जावं तशेंच जावं' म्हणून सगळ्यांक आशिर्वाद दिता. रंगयाळ्या फुलांनीं हांसता, पांचव्याचार पानांनी टाळयो पेट्टा, रूखावळीच्या ताळयां ताळयांनी नाच करता, सुकण्यांच्या गोड गळ्यांनी गीत गायता!

हांगाय तशेंच घडलां, काशीबायच्या मनाची घस पयस जाल्ल्या कारणान सैम देवतेन तिका आपलीशी करून घेतल्या. तीय तात्पुर्ती. खोशेच्या वातवरणाक बादा येवची न्हय म्हूण. कारण चंचल मनांचेर विस्वास दवरूंक खंयचीच शक्ती तयार नासता.

बरीं मनशां सदांच दुसऱ्याचे खुशालकायेंत समरस जातात. आपली सासूमांय खोशयेन भरल्या ती पळोवन दुर्गाक खूब बरें दिसलें. तिची खुशालकाय अशीच सदांकाळ तिगून उरची म्हूण ताणें देवाकडे मागणें केलें.

घर बरें थंड उरतलें जाल्यार घरांतलीं जाण्टीं आनी भुरगीं धादोशी आसचीं पडटात, हाची जाणविकाय दुर्गाक आसली. ताका दिसलें, ह्या फुडें आपल्याक बरेच दीस पळोवंक मेळटले. पूण ताचें चिंतन चुकीचें थारलें.

काशीबाय सुखाचीं सपनां रंगयता आसतनाच दुसरे दिसा सक्काळीं फुडें जनेंआकाचो पांय बंगल्याक लागलो. तशें जनेंआकाचें बंगल्यार येवप-वचप दोन-दोन दिसांनी आसताच. काशीबायचें आनी ताचें बेस बरें जमता. काशीबायक घरांतलीं मनशां उठचे पयलीं कडकशी च्या जाय पडटा.

जनेंआका ही संद सादोवन ज्युस्त वगतार बंगल्याचीं सपणां चडून काशीबायक वांगड करता. मागीर घे! उणेंच एक वर तरी चकाटां चलताच दोगांय मदें.

"यो गो जन्या, बस!" काशीबायन जनेंआकाक येवकार दिलो.

"बसतां बाये. आवयस! नाका जाता गे बाये ह्या वयांत."

"खंय गो तूं, ह्या आठ दिसांत पत्तोच ना मगो तुजो?"

"कसो आसतलो, त्या कावेरील्या चलयेचें लग्न जालें न्ही गे, थंय उरलें आठ दीस. मोडूं नज जालो बाये आग्रो. रावलीं आठ दीस."

"बरें केलें."

"तुगेले सुनेक दीस गेल्यात खंय गे?" जन्यान काशीबायच्या हातांतल्या पेल्याकडें लक्ष दीत प्रस्न केलो.

"तुकांय कळ्ळी खबर?" काशीबायलो चेरो इल्लो चडूच परजळ्ळो.

"रत्न्या, जनेंआका आयलां गो, पेलो भरून दाटशा दुदाची च्या घेवन यो."

"बऱ्यो गजाली केन्ना लिपोवन दवरपाच्यो आसतात गे काशीबाय? तूं आजी जाता तें आयकून म्हाकां कितली खोस भोगली जाणा तूं? हातांतलीं कामां थंयचे थंयच सोडून धांवून आयलीं बाये! म्हळें, पळोवया खरें फट कितें तें." जनेंआकान मस्को लावपाक सुरूवात केली.

"खरें-फट बी कांयच ना. सोळा आणे खरें, हांव आजी जावपाचीं आसा. खासा सूनबायच्या तोंडांतल्यानूच वदोवन घेतल्या हांवें ही खबर." हें सांगता आसतना आपले कुडीक आंगळभर मांस चडिल्ल्याचो भास

जालो तिका.

"जावं गे बाये, देव पावलो तुका. फाटीं सत्यनारायणाची पुजा केल्ली न्हय गे तुवें? ती केन्ना फुकट वता? तुका सांगतां काशीबाय, ते गोधू मावशेले सुनेक बारा वर्सां जालीं लग्न जावन, तरी भुरगें नासलें. कोणें तरी सांगलें पुजा कर म्हूण. ताणीं ती केली. मागीर घे, चार वर्सांक तीन भुरगीं न्हय गे तिगेर! हांव फट सांगताशें दिसल्यार, त्या पंचूक विचार."

"नाका गो जनेंआका. म्हजो तुजेर पुराय विस्वास आसा."

"आसा मगे, जालें तर. आतां एक कर!"

"सांग तूं. तूं कितें वांकडें सांगतलें म्हाका?"

"छे-छे! तसलें अजिबात चिंतूं नाका तूं. तुका वांकडो सल्लो दिवन हांव बऱ्याक पावतलीं गे? हे च्याक तरी पाळो दिवं नाका!" जनेंआका च्याक लागून काशीबायचें वायट चिंतीना, हें सिद्द जालें.

"च्याचें कितें घेवन बसलां गो जनेंआका तूं. उलय आं, उलय तूं."

"काशीबाय!"

"ओ!"

"तुगेली सून खूब शिकल्या म्हूण आयकतां हांव, खरेली गजाल गे ती?"

"म्हाका कितें कळटा गो शिक्षणाचें. ताचो बापूय शाळा मास्तर. म्हणटकूच धुवेक फाव तें शिकप दी नासतना रावत तो? त्या शिक्षणाचें भंगूं. तुका कितें सांगूंक जाय तें सांगून मेकळें जा पळोवया?"

"शिक्षणाचें भंगूं कित्याक? शिकिल्ल्यो आवयो भुरग्यांची वाट लायतात, हें जाणा मगे तूं? तूं म्हजें बरें मागपी म्हूण सांगतां हांव. भुरग्यांक जल्म दी सर सुनेची काळजी घे. तिका खावंक-जेवंक भरपूर घाल. तिणें नाका-नाका म्हळें तरी. आनी हें पळे काशीबाय, एकदां भुरगें जल्माक आयलें म्हण्टकीर आवयकडें पातयेवं नाका आं. तुज्यान जाता ते मेरेन भुरग्याची काळजी तूंच घे गे बाये. बरें वतां हांव."

जनेंआका च्याये आक्त सोंपोवन सदां भशेन उठून गेलें. पूण ताचीं उतरां मात काशीबायक स्वस्थ बसूंक दी नासलीं. जनेंआकाल्या उलोवपांत कितेंय तरी तथ्य आसा, अशें काशीबायक दिसूंक लागलें. काशीबाय आनी कितेंय खपोवन घेत. पूण फुडें जल्माक येवपी नातवाचे बाबतींत इल्लीय घाळ रावूंक ती तयार नासली.

अर्विल्ल्या दोतोरांपरस काशीबायचो देव-दैवतांचेर चड भावार्थ. आंगोवण्यो, उपास-तापास आनी प्रसादांनी दुयेंतीक बरो येफेत मेळटा, अशें तिचें म्हणणें. हे विशीं ती आतां दुर्याचें कितेंच आयकून घेवंक तयार नासली. तिणें सोफेराक दुसरे दिसा सकाळीं गाडी तयार दवरूंक सांगलें.

काशीबायक ह्या दिसांनी देवांची याद जावंक नासली. घरांतले देव सोडले जाल्यार भायल्या सगळ्या देवांक विसरून गेल्ली काशीबाय. सत्यनारायणाचे म्हापुजेन आपलें सगळें ज्युस्ता ज्युस्त जाग्यार पडटलें, हो तिचो भावार्थ. पूण आतां जनेंआकान तिका मात्शी दुबावांत घाली आनी ती बिथरली.

आपले सुनेच्या पोटांतल्यान बाळक सुखरूप भायर पडटलें जाल्यार देवाक फाट करून चलचें ना. देव जालो म्हूण कितें जालो? आता मेरेन मागले बगर कोणें कोणाक कितें दिलां? तशें जाल्लें जाल्यार देवळांनी इतली गर्दी केन्ना जावंचीच नासली. कितेंय जावं विखाची परिक्षा घेवप समा न्हय. सगळ्या देवांक जाग्यार घालून, चिंताविरयत रावपांतूच शाणेपण आसा, अशें म्हूण ती नेटान कामांक लागली.

दुसऱ्या दिसा ती, तिच्या मता प्रमाण जागृत आशिल्ल्या देवांकडे गेली. सदांभशेन देवांक आनी पुजाऱ्यांक खूश करून जाल्या उपरांत तिणें जणेका देवाक प्रसाद लायलो. आपल्याक फक्त नातूच जाय म्हूण तिणें देवाकडे मागणी केली. पयल्या पांच देवांनी तिका नातूच जातलो म्हूण प्रसाद दिलो. सव्यान मात तिका नात जातली म्हूण कौल दिलो.

नात जातली म्हूण देवान कौल दिनाफुडें काशीबाय खुबळ्ळी.

तिका देवाचो खूब राग आयलो. तो राग तिणें पुजाऱ्याचेर काडलो. पुजाऱ्याक शेंबरांची नोट दिवपाचे तयारेन आसली. पूण आतां तिणें धा रूपये ताच्या हातार दवरले. ती रागान फणफणटाली. तिचे ओंठ पुटपुट्टाले. ती कितें पुटपुट्टाली तिकाच खबर!

काशीबाय आतां दिसभर देवांगेर भोवन दिवेलावणेर बंगल्यार पावली. ती आतां देवांचेर भार घालून हुस्क्या मेकळी जाल्ली. तिची आतां एकूच मोख आसली. ध्यान-मन सुनेचेर केंद्रीत करून नातवाची वाट पळेत बसप.

''आगो रत्न्या, इल्ली हुनहुनीत च्या हाड बाये! दिसभर भोंवून-भोंवून जीव सामको थकलो गे बाये. केन्ना काय बाज्जेर घालून घेनशें जालां.'' हात-पांय पुशीत, बडबडत काशीबाय मान्न्यांतल्यान भायर आयली.

''आई, सकाळीं पसून खंय तुमी? हुस्को करतां आमी हांगा. चेरो कसो पडला पळयात तुमचो. ह्या वयांत अशें भायर रावप बरें न्हय.'' च्याचो पेलो म्हऱ्यांत धरीत, खंती जावन दुर्ग्यान म्हळें.

''तें जालें गे. रत्ने खंय गेलें? तूं शी च्या घेवन आयल्या!'' काशीबायन मात्सो राग उक्तायलो.

''रत्नें कसल्या तरी कामांत गुंथिल्लेकडे आसा. ताका येवंक कळाव जातलो म्हूण, तुमकां पळेनाफुडें च्याक दवरलें.'' उजळ चेऱ्यान दुर्ग्यान जाप दिली.

''आयज बरें आसा गे. हे फुडें तुवें कसलेच कश्ट घेतिल्ले खपचेनात म्हाका आं, सांगून दवरतां.'' काशीबाय मायेन उलयली.

''कसलें काम केलां गे हांवें. इल्ली च्या केल्यार कितें व्हडलें जालें?''

''व्हडलें जावं जाल्यार ल्हान जावं. नाका म्हळ्यार नाका. म्हजो नातू वाडटा तुज्या पोटांत. फुडार तो म्हज्या कुटुंबाचो. कुळाचो! ताका कसलीच बादा जाल्ली म्हाका सोंसची ना.'' हें सांगतना काशीबायच्या

दोळ्यांत दुकां दाटलीं.

"खबर आसा गे आई म्हाका, म्हजी आनी म्हज्या पोटांत वाडट्या गर्भाची तुमकां कितली काळजी आसा पळे ती! पूण आई, वोग्गी देव कसो बसून कशें जातलें? गुरवार बायलेन हात-पांय हालोवंकूच जाय, अशें दोतोरांचें मत्त."

"खंयच्या दोतोरांचें मत्त? गळ्यांत वादयो अडकोवन भोंवतात तांचें? तांकां कितें कळटा गे गुरवारपणाचें? केन्नाचे पोर गे हे! तांच्या आजे-पणज्यांच्या आवयांनी असले दोतोर केन्ना पळेल्ले गे? तरी ते टुणटुणीत, बळीश्ट आनी कर्तुबी दादले जावन गेले काय ना गे! तें कितेंय आसूं. हांव म्हज्या नातवाचे बाबतींत सदांच शादूर रावतलीं. कसल्याच आलतू फालतू दोतोरांची सावळी लेगीत पडूंक दिवचीं ना म्हज्या नातवाचेर."

"आई, तुमी बग्गर नातवाचोच उल्लेख करतात आनी तुमकां नात बी जाली जाल्यार?" दुर्ग्यान मुमुरख्यांनीं प्रस्न विचारपाचें धाडस केलें.

"तें शक्य ना. देवांनी प्रसाद दिला ते प्रमाण म्हाका नातूच जातलो." काशीबायन आपलो देवावेलो विश्वास व्यक्त केलो.

आतां मात दुर्ग्यान सुबेज ना उलोवपाचें थारायलें. चड उलोवन कांयच फायदो जावचो ना, हें आतां कळून आयलें ताका. सासूमांयच्या आड उलोवंक गेल्यार घरांतली शांतकाय नश्ट जातली, तेन्ना सासूमांयचेंच खरें म्हूण वेळ मारून व्हरपाचें दुर्ग्यान थारायलें. कारण 'बाळंतपणाक म्हयने वचूंक जाय. तेन्नाचें तेन्ना पळोवया. उगीच शिता फुडें मीठ खावपांत कांयच अर्थ ना. करूं सासूमांय कितले प्रयोग करता ते. शेकीं करतली म्हजेरूच मूं? म्हज्या जिवाचें हांव पळोवन घेन. मात्शें सतर्क मात रावचें पडटलें.' अशें म्हणून दुर्गे निश्चिं रावलें.

काशीबायक दिशिल्लें आपली सून शिकिल्ली. ती आपली सांगणी-म्हणणी आयकून कशीच घेवचीना. तेन्ना सुने आड लडायेक

उबी रावचीच पडटली. मागीर हार पत्करपाचें काम सुनेचें आसतलें.

पूण तशें कांयच घडलें ना. सून आपले उतरा भायर वचना तें पळोवन काशीबायक चेव आयलो. ती आतां आपले सुनेचो देमायज मोग करूंक लागली. सुनेच्या फाटल्या फुडल्यान भोंवूंक लागली. 'सुनबाय. अशी बस-तशी बस. हे कदेलार बसूं नाका. ते कदेलार बस. अशी न्हिदूं नाका-तशी न्हीद. हेंच खावं नाका-तेंच खा. हेंच वखद घेवं नाका-तेंच घे.' फुडले तीन-चार म्हयन्यांत दोन गिराणां आयलीं. काशीबायन दोनूय वेळां एक विशिश्ट पद्तीन चार-चार, पांच वरां न्हिदून रावंक लायलें. तेंय उपाशीं. दुर्ग्याक दिसलें, ही साता जल्माची वैरीण आपल्या फाटल्यान लागल्या. तरी तें तोंड धांपून ओग्गी रावलें.

काशीबायल्या मोगाचो अर्थ दुर्गे बरेभशेन जाणा आसलें. ती आपल्याचेर मोग करिना, तर आपल्या पोटांतल्या बाळकाचेर करता. एक शेट तिजोरेचेर मोग करता म्हणजे तो तिजोरे भितरल्या भांगराचेर वो दुडवांचेर मोग करता. एकदां तिजोरी उकती करून तातुंतलो ऐवज भायर काडटकीर, रिकामे तिजोरीची वा पेटलाची जी गत जाता, तीच गत-तेंच मोल दुर्ग्याचें. ही गजाल मांय-सून, दोगांकूय खबर आशिल्ली.

मात काशीबाय आनी दुर्ग्याच्या विचारांत खूब फरक आसलो. काशीबायचो दुर्ग्याविलो मोग देखावो आसलो. कारण दुर्गे काशीबायली धूव नासली.

मात दुर्ग्यालें तशें नासलें. काशीबाय दुर्ग्याली आवय नासली तरी दुर्ग्याल्या पोटांत वाडपी भुरगें हें दुर्ग्याच्या रक्त-मांसाचें आसलें. काशीबायक ही खबर आसुनूय ती त्या भुरग्याचेर जिवापाड मोग करताली. तें भुरगें प्रत्यक्ष म्हऱ्यांत नासतना. दुर्ग्याक हें खूब म्हत्वाचें आसलें.

एक मनीस दुसऱ्याक सतत सतायता तें देवाच्यान पळोवंक नज जाता. तो मनशांनी घालून दिल्ल्या कायद्या रूपान दुर्बळाच्या सांगाताक धांवून येता. दुर्ग्याचे बाबतींतूय आतां तशेंच घडलें.

समाजान घालून दिल्ल्या नेमा प्रमाण गुरवारीणीचो पयलो बाळंटेर

आवय-बापायच्या घरा काडपाचो आसता. त्या नेमा प्रमाण गुरूजीन काशीबायक रकाद धाडलो की येता त्या सोमराक दुर्ग्याक व्हरूंक येतात म्हूण. आनी ते प्रमाणे गुरूजी आपले घरकान्नीक घेवन आयलोय बी.

हांगा दुर्ग्यालें 'शितुआसांव' कशें आसा, हें ताच्या आवय-बापायक बेस बरी खबर आशिल्ली. पूण तांणी काशीबायच्या आड तोंडांतल्यान एक उतर भायर काडलें ना. आनी काडिल्लें जाल्यार दुर्ग्याक तें मानवचेंय नासलें. उरफाटें तांणीं आपले धुवेची बरी काळजी घेता म्हूण काशीबायची तोंडभर तुस्तय केली. दुर्गे सासूमांयच्या म्हऱ्यांत आशिल्लें जाल्यार ताची वयल्या वयर सेवा जातली आसली हेंय दुर्ग्याचे आवयन तिका उलोवन दाखयलें.

"काशीबाय, आमी आमचे धुवेक बाळंटेराक व्हरतात खरीं, पूण तुमचो आशिर्वाद आसुनी ताचेर. तुमचो अणभव आमच्याहून दांडगो आसा, अशें दुर्गेंच सांगी आमकां. येयात आठ-आठ दिसांनी आनी तुमच्या घरगुती वखदां-पाणयाचें पळयात. तुमचेंच भुरगें. तुमीच करूंक जाय सगळें." दुर्ग्याचे आवयन काशीबायक व्हडपण दिवपाचें नाटक केलें.

"ते पासत हांवें तुमगेरूच कित्याक येवंक जाय गे! वखदांची पोटली बांदून दवरल्या हांवें. दितां रत्न्याकडें. दवरतलें तें गाडयेंत. सूनबायक सगळें सांगून दवरलां. कसलीय अडचण बी आयल्यार फोनार विचारल्यार पुरो." अशें म्हणून काशीबाय भितर गेली. एक प्लास्टीकची पिशवी थंय उबें आशिल्ल्या रत्न्याकडें हाडून दिली. ते पिशवेंत वेखंड, कोडू वोंवो, बाळशेपो आनी तसलेंच कितें कितें चेंपून-चेंपून भरिल्लें.

दुर्गे भायर सरचे वेळार काशीबायची नदर दुर्ग्याच्या पोटार परत परत वताली. एकदां तर तिच्या दोळ्यांतल्यान भळ्ळ करून दोन दुकां तिजुल्यांर पडलीं. खंयचीय सासुरवाशीण ती मागीर शिकिल्ली आसूं वा अडाणी, कुळाराची याद येतकीर खोशेन फुलताच. आनी आतां तर दुर्गे खासा आपले आवयगेर पाविल्लें. आवयचे उबेक, बापायच्या आसऱ्याक

आनी भावाचे मायेक आशेल्लें दुर्गें आतां बरेच दिसांनी कुळाराक पाविल्लें. तकलेवेलें चेंपण घोवागेर सोडून आयिल्ल्यान दुर्ग्याक आतां सगळेंच मेकळें-मेकळें, ल्हव-ल्हव दिसूंक लागिल्लें. आतां उणेच चार म्हयने तरी सासूमांयचे कटकटीपसून पयस आसतलें आसलें तें! तें आनी पोटांतलें भुरगें एकामेकांकडे पोटभर उलयतलीं, हांसतलीं आनी खेळटलीं, आपले भितरूच. कोण्णाक कळना पळे, तशीं!

दुर्ग्याच्या ह्या खोशेच्या खिणांचेर घालो घालपाक ना थंय ताची सासू आसतली, ना घोव. आसतलो तो खिणान खीण मायेच्या आनी अपुरबायेच्या रोसांत घोळोवपी ताचो हक्काचो आवय-बापूय.

आयज आमच्या चकचकत्या आनी वखवखत्या समाजाक आपले पुर्वज अडाणी-पिशे भासतात. ते ते काळाचे परिस्थिती प्रमाण, अशिक्षीत वातावरणांत वावरप जाल्ल्या कारणान तांचें खूब कितें चुकतालेंय आसूं ये. आतांचे चाली-रिती भायल्यो गजाली आदले तेंपार घडटाल्यो. आयज जें घडटा, तें फाल्यांय तशेंच उरतलें, हें कोणाच्यान सांगूं येत?

संवसार बदलत आसा. मनशाचे विचारूय बदलत आसतात. मनशाक तेच तेच गजालींची उबगण येता. तेच पासत हें सगळें घडत आसता.

अशें जरी आसलें तरी आमच्या शाण्या आनी बुदवंत पुर्वजांनी समाजाच्या गरजां प्रमाण, शाश्वत मुल्यांच्या आदारान, कांय नेम घालून दिल्यात. हे नेम घालून दिवपी आमचे पुर्वज बुरसट विचारांचे आसले, अशें आधुनीक शिक्षितांक कितलेंय दिसूं, पूण तें समाज हिताचें आशिल्ल्यान, शाश्वत आशिल्ल्यान तें दोळ्यां आड करून कशेंच उपकारचें ना. नव्या विचारांचे वावटळींत सांपडिल्ल्यांच्यो बुद्दी भेरेल्यो म्हूण खऱ्याचें खोटें केन्ना जावं येता?

आदले तेंपार सवायशिणी जाण्ट्र्यांक नमस्कार करताल्यो. ते पावटीक तांकां 'अश्ठपुत्र सौभाग्यवती भव' म्हूण अशिर्वाद मेळटाले. ते तेंपार समाजाक चड पुतांची गरज आसली. तरी व्हडल्या पुताक मान

व्हड. कुटुंबाची मिळकत, येणावळ व्हडल्या पुतांच्या ताब्यांत. कुटुंबाक सांबाळपाची जापसालदारकीय व्हडल्या पुताची. व्हडलो पूत राजा आनी कुटुंबाचे वांगडी प्रजा. म्हण्टकूच राजा हो बळिश्ट आसूं नाका? ताकाच लागून आवय-बापायचें आनी समाजाचेंय चड लक्ष व्हडल्या पुताचेरच आसता. ताकाच लागून फुडलें जोत चलता तशें फाटल्यांनी चलचें, अशी अपेक्षा आसता समाजाची! आनी तशी अपेक्षा कोणेंय केली तरी कितें चुकीचें आसा तातूंत?

लग्न जाल्या उपरांत पयलो बाळंटेर आवयल्या मनशांनी काडचो, असो एक नेम जाण्टेल्यांनी घालून दिला. हाचें कारण, पयलें भुरगें बळीश्ट आनी सुसंस्कारी जावंचें. भुरगें आवयच्या पोटांत आसतना ताचेर बरे संस्कार जातले जाल्यार आवयचें जिवीत सुखान वचूंक जाय. गुरवारीणीचें मन शांत आनी चेंपणाविरयत आसूंक शकता तें फक्त तिच्या आवय-बापायच्या, भाव-भयणांच्या मायेचे सावळेंत.

दुर्गे कुळाराक पावतांच ताका आपूण स्वतंत्र राज्यांत पाविल्ल्या वरी दिसलें. हें घर सोडून तें आपल्या हक्काच्या घरा गेल्लें खरें, पूण ह्या घराच्या कोनशान कोनशाक दुर्गे आपले मायेचें मनीस दिसतालें. ह्या घरांत चलतालें तें राज्य कायद्याचें नासून मायेचें आसलें. हांगा कोणाचो कसलोच दचक नासलो. सगळ्यांचें उठप-बसप मेकळेपणान जातालें. मेकळ्या वातावरणान मनीस फुलता. मरतुकडे लेगीत स्वतंत्रकायेन ताजेतात, पालेतात, फुलतात, सळसळतात आनी फरफरताय बी!

दुर्ग्याक आतां आवयगेर दुडवांची आनी भाटांबेसांची गिरेस्तकाय मेळपाची शक्यताय नासली. ताची ताका गरजूय नासली. मात हांगा ताका मोग-मायेची हक्काची गिरेस्तकाय वाडून दवरिल्ली.

काशीबायन दिल्लीं वखदां दुर्ग्यान आतां खंयच्या तरी कोनशाक मारलीं. कारण तातूंत सासूमांयचो सुवार्थ भरिल्लो. मोगान दिल्लीं कसलींय वखदां गुणांक पडटात अशी एक जाण्टेल्यांची म्हणणी आसा, ती फट जावंक नज अशें म्हणल्यार चुकीचें जावंचें न्हय!

दुर्ग्यान आतां भुरग्या सयत आपली पुराय कूड आवय सुवादीन केल्ली. दुर्ग्याचे आवयन घराव्या उपायांकडे दुर्लक्ष करिनासतना, शारांतल्या एका फामाद दोतोराक दुर्ग्याक दाखयलें. उत्तम आनी अणभवी दोतोराचे तपासणेखाला, हांसत्या-खेळत्या वातावरणांत दुर्ग्या पोटांतलो गर्भ आतां दिशीं दिशीं वाडत रावलो. आनी एक दीस-

एक दीस दुर्ग्यान गुबगुबीत, गुटगुटीत, नाक-दोळ्यांनी सोबीत, गोऱ्या गोऱ्याच सानुल्याशा बायुलाक जल्म दिलो.

नायक कुटुंबांत बाबू जावपाचो सोडून, बाय जालें. तरी एक काशीबाय सोडून दोनूय कुटुंबांतल्या ल्हानाव्हडांचीं मुखामळां पुनवेच्या चंद्रिमावरीं चकचकलीं.

दुर्ग्याक बाय जातांच फोनाफोनी जाली. पयलो फोन गजेंद्राक गेलो. सद्या तरी गजेंद्राक बाबा जालो कितें आनी बाय जालें कितें सारकेंच आसलें! ताचेर व्हडलो सो कांयच परिणाम जालो ना. ताणें फोनाचेरूच दुर्ग्याची खबर घेतली आनी निर्विकार नुरेन फोन दवरलो. दुर्गे बरे भशेन सुटलें हाचें ताका समाधान जालें.

केन्ना केन्नाय गंभीर आनी मुनक्या लोकांकूय सुवार्थी आनी घमेंडी लोकांक चाळोवन घालपाची कूय येता. गजेंद्र तसो गंभीर न्हय आनी मुनको तर न्हयच न्हय! तरी लोकांमदें सभ्यतायेनूच वागपाची संवय आशिल्ली ताका.

तरी आयज ताचो इल्लो तोल सुटलो. आपले आवयक मात्शी चाळोवन घालची अशें ताच्या मनांत आयलें. आपली आवय आपल्या नातवाचो ध्यास घेवन बसल्या. आतां आपल्याक नात जाल्या हें कळटकूच ती सामकी पिशी जातली. ते पयलीं तिका मात्शी खूश केल्यार बरी, अशें म्हूण गजेंद्र काशीबायचे सोदीक गेलो.

''आई, तुका खोशेची खबर आसा.'' गजेंद्र भितरले भितर खूक करून हांसलो.

''खोशेची खबर? ती आनी कसली रे बाबा! म्हाका नातू बी जावना

मरे?'' हातांतल्यो वाती, म्हाणायेर तशोच सोडीत काशीबाय न्हिदेंतल्यान खडबडीत जागी जाल्ल्यावरी उठली.

''आगे हांव तुका तेंच सांगूंक आयलां. तुका नातूच जाला खंय.'' सांगता आसतना गजेंद्राक खातकुतल्यो जाल्यो.

''खरें सांगता मरे तूं? काय बकस्सायो करता रे म्हज्यो?'' काशीबायन पुताचेर मात्सो अविश्वास दाखयलो.

''तुजे बाबतींत म्हजेकडच्यान केन्ना अशें कितें घडटलें?'' गजेंद्रान गंभीरतायेन जाप दिली.

''हय रे बाबा. जाणा हांव. जावं सायबा, देव पावलो रे बाबा! हांव जाणांच आसलीं, हावें केल्ल्यो आंगोवण्यो आनी मागण्यो फुकट वचपाच्यो ना म्हूण. शेकीं देवानी दिल्ले प्रसाद फळाक आयलेच. आरे, पूण तुका फोन कोणे केलो तें तुवें सांगलेंना मरे म्हाका. मांवान ना जाल्यार मेवण्यान तरी केला मरे?''

''इस्पितळांतल्यान कोणे तरी केला.''

''तशें जाल्यार तो जापसालदारकेच्या मनशानूच केला जातलो. आरे इतली बरी खबर दिवन खूंट कसो उबो रावन कितें पळयता? चल मरे गाडी काड भायर. पळोवं दी म्हाका म्हज्या नातवाचें तोंड! केन्ना काय म्हजे कान-दोळे तृप्त करीन अशें जालां म्हाका.''

''गाडयो खंय आसात गे. दोन बंद पडल्यात. चलता ती गाडी घेवन महेश बाजारांत गेला. हांवेंच धाडला ताका माराणाची कास हाडूंक.''

''आरे, धाडचे पयलीं म्हाका सांगपाचें न्हय रे बाबा! हांवें एक म्हयनो जालो माराणाची कास हाडून दवरल्यार.''

''शेळेली आसतली ती येन्ना.''

''कित्याक शेळेतली? हांव पळेतां.'' अशें म्हणून काशीबाय झडझडीत भितर धांवली. इतक्यांत फोन वाजलो. गजेंद्रान तो घेतलो.

''काशीबाय आसा?'' फोनांतलो आवाज.

“आई, तुका फोन गे.” फोन म्हण्टांच काशीबाय धांवून भायर आयली.

“काशीबाय तुका परबीं. तूं आजी जाली.” फोनांतलो आवाज.

“तें जाणा हांव. कसो आसा म्हजो नातू?”

“नातू? नातू खंयचो गे, तुका नात जाल्या नात!”

‘तुका नात जाल्या’ हें आयकनाफुडें काशीबायचे दोळे खिणांत वरशे जाले. तिच्या हातांतलो रिसिव्हर खंय पडलो, हाचें तिका मात्तूय भान उरलें ना. थोडे वेळान काशीबाय सावसीग जाली आनी कपलार हात धरून थंयच बसली!

:११:

दुर्ग्याक बाळंत जावन आतां चार म्हयने सरले. व्हडलेशे जाल्यार दोन ते तीन म्हयने बाळंतीण आपले आवयगेर काडटा. खरें म्हळ्यार दुर्ग्याक दोन म्हयन्यानीच आवयगेर सावन घरा येवपाचे चिमटे येवंक लागिल्ले. तशें ताणें आपले आवयक उलोवनूय दाखयल्लें. काशीबायचें सोडून दी. ती रत्याकडसून आपलें सगळें करून घेतली. पूण दुर्ग्याक चड काळजी आसली ती गजेंद्राची. एक दीस लेगीत दुर्ग्यापसून पयस रावंक सोदी नासलो गजेंद्र! तो आतां म्हयन्याचे म्हयने पयस आसलो. तसो तो मदल्या काळांत दोन-तीन वेळां खबर घेवन आयिल्लो दुर्ग्याची. बाकी चडशें उलोवप तांचें फोनाचेरूच चलतालें.

खरें म्हळ्यार काशीबायन सुनेचे आनी नातीचे खबरेक एकदां तरी येवन वचपाचें. ती खबरेक गेली ना ती गेली ना, फोनार तरी खबर घेवपाची? तीय ना. एक आजी आपले नातीचो इतलो तिरस्कार करता? तोंडार नदर लेगीत घाली ना?

एक वेळ काशीबायन आपले सुनेचो तिरस्कार केल्लो जाल्यार समजूं येतालें. ती परंपरेन चलत आयिल्ली दुस्मानकाय. मुंगूस-सोरपाची आसता तशी. पूण एका निश्पाप आनी निर्बुद्द भुरग्याचो तिरस्कार करप,

हाका मनीसपणाचें लक्षण म्हणू येत?

मनांत कितेंय आसूं. जनाचो विचार करून तरी नातीच्या जल्माची खुशी मनोवंक जाय आसली काशीबायन. निदान आपल्या सुनेच्या आनी पुताच्या मनाक बरें दिसचें म्हूण तरी, हांसतो चेरो करून वावुरची आसली बंगल्यार!

पूण ना. तिका नात जाली, ही खबर तिच्या कानार पडली आनी ती पिसावली. देवाक आनी भट-पुजाऱ्यांक लागली खेपूंक. तिका दिसलें, देवान तिका फटयली. तिचे पयशे खाले आनी फायदो मात कसलोच करून दिलो ना.

खरें म्हळ्यार काशीबाय एक नंबरची मूर्ख आसली. तिका दुडवांचो मद मारिल्लो. तिका देवानूय आपल्या पांयांकडे यो म्हूण सांगूं नासलें आनी खंयच्या भटानीय तिचेकडे दुडू मागून प्रसाद लावपाचो फोर्स करूंक नासलो. ती स्वता पांचव्यो नोटी दाखोवन भटा कडसून सगळ्यां पयलीं आपलें काम करून घेताली आनी आतां आपल्याक जाय तशें जालें ना म्हूण सगळ्यां नांवान बोबो मारीत सुटिल्ली.

काशीबाय एकदां पिसावली, की तिच्या मना आड वचपाचें धाडस बंगल्यावेलो आनी शेजराचो कोणूच मनीस करूंक शकनासलो. मनांत आसून लेगीत तिच्या भंयान बंगल्यावेलो कोणूच दुर्ग्याचे खबरेक गेलो ना.

आपल्याक चली जालें हें आपले आवयक मानवलें ना. दुर्ग्याच्या गुरवारपणांत काशीबायच्या चेऱ्यार सदांच खोशी पातळिल्ली दिसताली गजेंद्राक. दुर्गे आतां बाळंत जालें आनी काशीबायच्या चेऱ्याक गिराण लागलें. त्या गिराणाची सावळी शीलाचेर पडची न्हय म्हूण, मनांत आसुनूय दुर्ग्याक घरा हाडूंक फाटीं-फुडें सरतालो गजेंद्र.

दुर्ग्याक घरा हाडूंक घाई ना करपाचें आनी एक कारण आसलें गजेंद्रा मुखार. ताचो मावोडो सुशिक्षीत आसलो. घरांत एकमेकांकडे कशें वागचें हाची जाणविकाय आशिल्ली. ताका लागून शीलाक जाता

तितले चड दीस थंयच्या आज्या-आज्जे म्हऱ्यांत दवरचें अशें गजेंद्राक दिसतालें.

दुर्ग्याक आवय म्हऱ्यांत सूख मेळटालें, पूण तें अडेचें आसलें. मेळटा म्हूण चड भोगचें न्हय. मनाक आवर घालून, आपल्या हक्काच्या घरा वचून दुख्खांत सूख भोगचें, अशें ताका दिसतालें. ताका लागून घोवान ताका आपूण जावन घरा यो म्हणचें, अशें दिसतालें.

दुर्ग्यान गजेंद्राच्या आपोवण्याची वाट पळे पळे पळेली. एक दीस उबगून ताणें बापायक म्हणलें-

''बाबा, म्हाका हांगा येवन कितले दीस जाले?''

''खंय जाल्यात गो दीस! देडेक म्हयनो जाला जातलो.'' गुरूजी सहज उलोवन गेलो.

''बाबा, देड म्हयनो.... कितें उलयतात तुमी? चार म्हयने जाले, चार! शीलाकूच आतां तीन म्हयने जाले.''

''जावं आं, कितलेय! आमकां ते थोडेच. एका निमतान आयिल्लें आसा. राव आनी थोडे दीस. हांव सांगतां तुगेल्या घोवाक, दवरतां म्हूण हांगा थोडे दीस! हांगा रावलें कितें आनी थंय रावलें कितें, कितें फरक पडपाचो आसा? कायमचें काय रावचें ना हांगा.''

''आई हें तूंच उलयता मगे? काय तुज्या काळजांतली माया गे. तुका कांयच फरक पडना जायत. म्हाका पडटा. म्हजी जापसालदारकी खिणा खिणांत चिमटायता म्हाका. तूं गजेंद्राक कांयच सांगूं नाका. हांवच सांगतां ताका येता त्या आयताराक व्हरूंक यो म्हूण. तो म्हाका आपूण जावन यो म्हणचो ना. बंगल्यार कामवालीं कितें उणी आसात गे? ते भायर बायचे सेवे खातीर खास अशी एक नर्स लेगीत दवरूंक तयार जातलो गजेंद्र. पूण ताचे आवयच्या तंत्रान सगळ्यांक वागचें पडटलें. ही गजाल गजेंद्राक आवडचेली ना, म्हूण तो वोगी आसा.''

शाण्या मनशाक चड सांगपाची गरज आसना. गुरूजीक दुर्ग्याचें म्हणणें पटलें. ताका आपली धूव आनी नात आनीकूय म्हऱ्यांत

आशिल्ली जाय आसली. खूब सूख मेळयल्लें ताणीं फाटल्या तीन म्हयन्यांत, बाळ-बाळंतिणीकडच्यान. धादोस भरीत जाल्लीं आजो-आजी आनी मामा! पूण हें सूख सदांकाळ तिगून रावपाचें नासलें. जणेके गजालीक मेर ही आसताच!

:१२:

आयताराच्या सांजवेळार, पांचांच्या सुमाराक गाडी बंगल्याचे गेटीकडे थांबली. थांबली ती बंगल्यावेल्या कोणाच्या लक्षांत आयली ना. काशीबायचें कर्म तें.

आपूण दुर्ग्याक हाडूंक वतां म्हूण गजेंद्र सांगून गेल्लो आपले आवयक. आपले नातीच्या येवकाराक दोळ्यांत तेल घालून वाट पळेतली आपली आवय, अशी अपेक्षा करतालो गजेंद्र. पूण तशें कांयच घडलें ना.

शिटूक काशीबायन गजेंद्र दुर्ग्याक घेवन बंगल्यार केन्ना पावतलो, हाचो अदमास केल्लो. एक वर आदींच तिणें बंगल्यावेल्या सगल्या कामवाल्यांक कसल्या ना कसल्या कामांक धांवडावन दिलीं आनी आपूण आपले कुडीचें दार धापून वोग्गी बाज्जेर पडून रावली.

बंगल्यार कोण दिसना तें पळोवन गजेंद्रान दोन-तिनदां हॉर्न मारलो. दोन-तीन मिनटां तीं तशींच बसून रावलीं. कोण येना तें पळोवन गजेंद्रान देवून गाडयेचें दार उक्तें केलें. पयलीं ताणें शीलाक वेंगेंत घेतलें. मागीर दुर्ग्याक देवोवन ताचेकडे शीलाक दिलें.

दुर्ग्याच्या येवकाराक मनशां कोण नासलीं म्हूण कितें जालें? इस्कादी वयर दाराकडे बांदिल्लो सुणो-टायग्रू, दुर्ग्याक पळोवन शेपडी हालयत, क्यांव-क्यूं-ग्रोंव करीत आपलीं दावकुलां हालयत दुर्ग्याक आपोवंक लागलो. गजेंद्रालो बंगलो आनी फ्लॅटांच्या मदेकात एक ल्हानशी आमुल्ली आसली. तिच्या दाट पानांनीं लिपून बशिल्ल्यो चानयो एका फाटल्यान एक चुकचुकूं लागल्यो. आनी एका फ्लॅटाक तेंकून पेरीचें

झाड आसलें. ताचेर सदांच येवन बसपी किराची नदर दुर्ग्याचेर पडली. तो खोशयेन उडलो. किर्र-किर्र करून ताणें पेरी भोंवतणी एक फेरो घेतलो आनी परत पेरीर येवन बसलो.

इतल्यान खंयच्यान तरी चारूय वाटांनीं मंद-मंद वाऱ्याच्यो झुळको आयल्यो. पयलीं ताणीं दुर्ग्याच्या सगळ्या आंगाक स्पर्श केलो. मागीर त्यो बंगल्याच्या शेर्कांत आशिल्ल्या फुलझांडांनी शिरल्यो, हीं फुलझाडांय तांचीच वाट पळेतालीं जावंये. ह्या झुळक्यांच्या आदारान सगळीं झाडां लागलीं कुदूंक-नाचूंक. तांची ताळयेन ताळी, पानान पान, कळयेन कळी, फुलान फूल मेळत तशीं हालून-धोलून दुर्ग्याक हुनहुनीत येवकार दिवंक लागलीं. हो येवकार अणभवून दुर्ग्याचें मन फुललें, ताणें खोशयेच्या भारार शीलाचे पाप्यांचेर पापे घेतले. रावंक नज जावन ताणें शीलाक म्हणलें-

"म्हज्या भांगरा, तुका हांगा आजो ना, काका ना, आतें ना, आजी आसून आजी ना." दुर्गे अशे तरेन उलयलें की शीलान ताच्या चेऱ्यावेले भाव वळखले जावंये! ताच्या कपलार मिरयो पडल्यो. चेरो रडकुरो जालो. ताणें रडपाक तोंडाचो बोचो केलो, तितल्यांत दुर्ग्यान फुडें उलोवपाक सुरवात केली-

"पूण सोन्या म्हज्या, तूं कसलीच काळजी करूं नाका. तुजी अपुर्बाय करूंक हांगा मनशां नासूं. तुज्या वांगडा खेळूंक कुतू आसा, म्यांव आसा, पांजऱ्यांत सावू आसा, जनेलार कावू येतलो आनी तुजी मां आसा." दुर्ग्यान वाक्य अशे तरेन पुराय केलें, की रडपाचे देगेर आशिल्ल्या शीलान आपलें पगडूल साळोरेच्या पिलाभशेन उक्तें केलें.

गाडयेंतल्यान देंवता आसतना दुर्गे निर्शेल्लें. आतां ताका इतलो नेट आयलो की राणये पावलांनी शीलाक घेवन तें सोपणां चडून वयर गेलें.

फाटल्यान गजेंद्राक हातांत भरिल्लीं बॅगां घेवन सोपणां चडचीं पडलीं. पयलेच पावट हातांत बॅगां घेवन सोपणां चडपाचो वगत आयिल्लो

ताचेर. बंगल्यांत इतलीं कामवाल्यां आसून, दुडवांचे राशीर पडून रावपी, येद्या व्हडल्या गिरेस्ताचेर बॅगां उखलपाची पाळी येवची? तीय आपल्या आवयच्या पाड्या करण्यांनीं? हें आतां तिगेलें चड जालें! ह्या फुडें तिका ओगी रावल्यार ती सगळ्यांच्या माथ्यार बसतली. तिका लिसांव शिकोवंकूच जाय. तिचो मद जिरोवंकूच जाय.

सदांच शांतकायेन दीस काडपी गजेंद्राचें पित्त आतां खवळ्ळें. सदांच उजळ दिसपी गजेंद्राच्या चेऱ्याचेर खिणांत काळसाण पातळ्ळी. कपल मिरयांनी जाळयेलें. दोळे रागान तांबशेले. गात्रान गात्र ताचें थरथरपाचे वाटेर पावलें.

गजेंद्रान हातांतलीं बॅगां व्हरून दुर्ग्याचे सुवादीन केलीं. शीलाच्या गालांचो उमो घेतलो. तकली शांत जावची म्हूण, कुडींतल्या जनेलाकडे आशिल्ल्या हालत्या-धोलत्या कदेलार वचून बसलो.

आतांच गाडयेंतल्यान आयिल्लें शीला सुस्त पडून आसलें. कुडींतलें व्हडलें जनेल ताका थंड वाऱ्याचें सूख दितालें. ताका लागून गाडयेंतल्यान दमून आयिल्लें शीला आतां बेगीन जागें जावपाचीं चिन्ना दिसनासलीं.

शीला म्हऱ्यांत ताचो बापूय बसला तो पळोवन दुर्गे च्या करपाक रांदचे कुडींत गेलें.

गजेंद्र धोलत्या कदेलार हालनासतना दोळे मिटून चिंतपांत गूंग जालो. तो आतां दुर्याक, शीलाक आनी स्वताक विसरून गेल्लो. ताच्या दोळ्यांकडे बोवाळटाली ती फक्त पिसांट कशी ताची आवय!

पिसांट? काशीबाय खऱ्यांनीच पिसांट आशिल्ली? ना! तिका मारिल्लो सत्तेचो आनी गिरेस्तकायेचो मद. गिरेस्तकायेच्या मदान तिणें आपल्या घोवाक त्रास दिल्ले. आता ती एकुलत्या पुताक आनी सुनेक सतावंक फुडें सरिल्ली. तीय बुन्याद नाशिल्ल्या कारणांक लागून. दोळ्यां मुखार वावुरपी पुताक पयस करून, ताका दुख्ख दिवन, अदृश्य नातवाच्या मोगांत पडल्या आपली आवय. तिका नातू जाय, तोय सुखाक न्हय, तर

कसलेच कश्ट करिनासतना मेळिल्ले गिरेस्तकायेचो वारस जावपा खातीर. हाचेवेल्यान अशें दिसून येता, आपले आवयक जिवंत मनशांचो मोग नासून ती मोग करता फक्त स्वताचेर आनी गिरेस्तकायेचेर. असले बायलेक – ती मागीर कोणूय जावं, आवय ना जाल्यार भयण–जाग्यार हाडुंकूच जाय. ती जाग्यार आयलीच ना, तर हो बंगलो सोडून, बायले–भुरग्याक घेवन पयस खयीं तरी वचून रावपांत शाणेपणाचें आसा. गजेंद्रान आपलो बेत पक्को केलो.

केदे वेळान दुर्गे च्याचो पेलो घेवन कुडींत आयलें. गजेंद्राक स्टिलच्या, पूण उब्या काठाच्या पेल्यांत च्या पिवंक आवडटा. तोय ताचे खातीर खासा राखून दवरिल्लो.

पिकार जाल्ल्या गजेंद्रान पेलो हातांत घेतलो. पेलो तोंडाक लावचे पयलीं तो दुर्ग्याच्या तोंडाकडे पळेत रावलो. ताका दिसलें, आपलें नशीब बरें म्हणुनूच दुर्ग्या सारखी बायल गावली. आनीक कोणूय बायल जाल्ली जाल्यार सासूमांयच्यो करण्यो पळोवन आड्डून घर माथ्यार घेतली आसली.

गजेंद्राच्या मनांत कितें चल्लां हाची दुर्ग्याक कल्पना आयली. तें ताच्या म्हऱ्यांत वचून उबें रावलें. हळू केंसांचेर हात ओडीत ताणें म्हळें–

‘‘पी मरे ती च्या. थंड जावची ना?’’

‘‘दुर्ग्या, तूं म्हजे पासत कितलें सोंसता गो!’’

‘‘तुज्या खातीर सोंसीना जाल्यार आनी कोणा खातीर सोंसतलें हांव?’’

‘‘आई आतां चडूच करता गो दुर्ग्या. तिच्यो ह्यो करण्यो सोबतात गो आमच्या घराण्याक? तिका जाग्यार हाडचीच पडटली.’’

‘‘समजावची पडटली म्हण रे. आई दुश्ट न्हय. अज्ञानी ती. तातूंत मात्शी हट्टीय आसा. आसता एक–एकट्याचो सोबाव. हांव समजायतां तिका. तूं मनाक लावन घेवं नाका.’’

‘‘इतलें सगळें घडुनूय तूं समजावपाची भाशा करता? तुका जाय

तें कर. म्हाका तिका जाप विचारूंकूच जाय.''

गजेंद्र एकदां थारायल्लें केले बगर कसोच रावना. दुर्ग्याकूय ताची कल्पना आसली. तरी तें ताका समजावपाचो येत्न करतालें. किजिलांक सारें-उदक घाली नासतना, समजीकायेन घरांत शांतकाय नंदता तर ती जाय आसली दुर्ग्याक!

आयज मात तें आपले घोवाक आवरूंक शकलें ना. ताणें सदांभशेन ताका समजावपाचें काम केल्लें. फुडलें ताच्या हातांत नासलें. आवय-पूत कितें करतात तें करूं दी म्हूण तें शीला खातीर दुदाचे तयारेक गेलें.

आतां तांकां येवन एक वर पासार जाल्लें. तरी आख्खो बंगलो रिकामो आसलो. काशीबाय अजून आपले कुडींत पडून आसली. सगळ्यांत पयलीं सोपणां चडून वयर आयलें तें रत्नें. काशीबाय खंय आसा तो ताणें अदमास घेतलो आनी नीट दुर्ग्याले कुडी दारांत गेलें. दोगांच्योय नदरो एकवटल्यो. रत्न्यान पिच्च करून दांत दाखयले आनी तें थंयच्यान नाच्च जालें.

गजेंद्राची अपेक्षा आसली, दुर्गें आयिल्ल्यान रत्न्याक खोस भोगतली. दुर्ग्याकडे तें बरे भशेन उलयतलें. तागेल्या बायक अपुरबायेन पळेतलें. ताची आस्थेन खबर घेतलें.

पूण तशें कांय घडलें ना. रत्नें तशें वायट न्हय. आतां सुवार्थाक लागून इल्लें चाडयारें जावं तें मागीर. पूण दुर्ग्याकडें ताची ओड आसा. आतां तें वागलें, तें काशीबायच्या भयान. दुर्ग्या फाटल्यान काशीबाय दुर्ग्या आड कितें-कितें उलयली, तें रत्न्याच्या मनांत आसलें आनी काशीबायक मानवना तें रत्नें कशेंच करूंक तयार नासलें.

गजेंद्राक हाची कल्पना आसली. रत्न्याच्या ह्या वागण्यान ताका चड तिडक मारली ती आपले आवयची. आदींच तो तिचेर फेर्रार आसलो. रत्न्याच्या वागण्यान उज्यांत तेल फांफुडलें. त्याच नेटार तो आवयचो सोद घेवंक धांवलो.

सांजेचो स चो सुमार जालो तरी काशीबाय कुडीच्या दाराक

भितरल्यान खिळी घालून बाज्जेर वळवळटाली. चुळबुळीं मनशां सवंग घेवन खयीं पडून रावलीं, तरी तांकां हातरूणाचें सूख मेळना.

गजेंद्रान रागान वचून दारार थाप मारली. काशीबायन हळू दार उक्तें केलें. तिचो चेरो निर्शेल्लो. आख्खें मुखामळ काळशेल्लें. केंस पिसुडलेले. न्हेसणय 'काशीबायक' फाव तशें नासलें.

दारावेलो हात काडिनासतना काशीबाय दोळे बिटबिटावन आपल्या पुताक पळेत रावली. कोण लागिल्ल्यावरी अवस्तकाय जाल्ली तिची. नदर तिची गुन्यांवकारिणीची दिसताली. कसलें तरी माथ्यार चेंपण घेवन ती वावुरता, अशें दिसतालें पळयतल्याक.

"आई तुवें हें कितें येवजिलां?" आपूण आपले आवयकडे उलयतां, हाचें भान दवरून गजेंद्रान प्रस्न केलो.

"कांयच ना. हांवें खंय कितें केलां रे?" दार सोडून काशीबाय संथ पावलांनी भायले मेकळे सुवातेर आयली. आपूण ते गांवची न्हयच हे भशेन ती शिटुकसाणीन उलयली.

"बंगल्यार इतलीं मनशां आसतना, हो बंगलो खावंक येता. खंय गेले नोकर-चाकर सगळे, आनी कोणाक सांगून गेले?" गजेंद्र मात्सो आवाज चडोवन उलयलो.

"गेल्यांत तीं आपापल्या कामांक. हांवेंच धाडल्यांत तांकां."

"आगे पूण हांव तुका सांगून गेल्लों मगे, सुनेक हाडूंक वतां म्हूण. तांकां येवकार दिवपाक हाजीर आसूंक जाय आसलीं सगळीं. तुवें तांकां सांगूं ना, आयज तुजे अपुर्बायेचे नातीचे पयले पांय हे मठयेक लागतात म्हणून? हें आयकून तांकां खोस भोगची नासली? आपले खोशयेन बंगल्यावेले एकानएक मनीस येवकाराक तयार जावन रावतले आसले, बाळ-बाळंतणीच्या! चार म्हयन्यां उपरांत घरांत उजवाड घेवन आयल्या म्हजी घरकान्न! हाचें तुका कांयच दिसलें ना गे आई?"

"तो उजवाड तुमच्या खातीर जायत, म्हाका तो काळोखूच. चलये पावटीक चल्याक घेवन आयिल्ली म्हजी सून जाल्यार दिवाळी मनयतलीं

कशींच चलपा ना. तो सट्ट करून कदेलावेलो उठलो. कदेल फाटी धुकलून मेकळे सुवातेर वचून उबो रावलो. दोळे मोटे आनी वाळू वाकडी करून, ओंट हालयत ताणें प्रिन्सिपलीकडे रागान पळेलें. मंत्र्याचो हो राग अशें सुचयतालो, की प्रिन्सिपलीची आतां ह्या फुडें धडगत ना.

दाराकडेन पावमेरेन मंत्र्यान प्रिन्सिपलीकडे रागान कोरें करून पळेलें. प्रिन्सीपल मात शांत आनी निर्विकार.

मंत्री कॅबिना भायर सरलो. प्रिन्सिपल मात शांतपणान आपले सुवातेर केदो वेळ तशीच बसून रावली.

एका मंत्र्याचो अपमान! व्हड अपमान!! कितें समजता ही प्रिन्सिपल स्वताच्या जिवाक? राज्याच्या येद्‌या व्हडल्या मंत्र्याचें कुस्कुटभर काम करूंक जायना? आनी कोणूय जाल्लो जाल्यार मंत्र्याची मागणी पुराय करपाक धांवून ताच्या पांयांकडेन वचपाचो. मंत्र्याचें काम करून आपल्याक जाय तें मागून घेवपाचो. हे भशेन मंत्री सरकारी सेवकां कडच्यान जाय तीं कामां करून घेतात. सेवक कायद्याचेर बोट दवरतात तेन्ना मंत्री सेवकांक सांगतात, कितेंय कर, पूण काम जावंच्याक जाय म्हणचे जावंच्याक जाय. मागीर हुशार सेवक पळवाटो सोदून काडटात आनी मंत्री सांगता तें काम करून मेकळे जातात आनी ही प्रिन्सिपल एका मंत्र्या मुखार इतली कडक रावता? मंत्र्याच्यान ही गजाल कशीच सोसूंक जाली ना. ताणें प्रिन्सिपलीक लिसांव शिकवपाचो निश्चेव केलो.

मंत्री येवन गेलो आनी इस्कोलांतल्या चडशा टिचरींक एकमेकांच्या कानाक लागपाची संद मेळ्ळी. चडशो म्हणपाक कारण अशें की त्या इस्कोलांत कांय टिचरी बऱ्या देखीच्योय आसल्यो. आपलें काम बरें आपूण बरी, म्हूण काम करपी थोड्यो तरी टिचरी आशिल्ल्यो म्हणून त्या स्कुलाक नांव आसलें.

तशें कितेंच घडले बगर मंत्री स्कुलांत येवचो ना, अशें शिक्षिकांक दिसतालें. कारण सोदून काडल्या बगर कांय टिचरींक तर न्हीद लागऽ सारकी नासली. तरी हे विशीं स्टाफरूमांत बशिल्ले कडेन उलोवप शक्य

नासलें. कारण टिचरां मदीं माद्रीय आसल्यो. कांय माद्री प्रिन्सिपलीचेर कोंत्र आशिल्ल्यो तरी एकदोन तिचेर बऱ्योय आसल्यो. ताका लागून प्रिन्सिपलीविशीं बरें-वायट उलोवपाचें धाडस कोणाकच जाय नासलें.

तरी लिपून-चोरून कितेंय उलयतलीं जाल्यार प्रयोगशाळा आशिल्लीच. प्रयोग चलतात तेन्नाच भुरगीं गर्दी करून आसतालीं थंय. प्रयोगशाळेचो ताबो आसतालो एके माद्रीकडेन. मात ही माद्र जातीन चाड्डी आनी प्रिन्सिपल खारवीण तेन्ना दोगांचेंय कशेंच पटनाशिल्लें. हे चाड्डेचें आनी टिचर पीपीचें बरें जमतालें. मागीर तांकां टिचर सिल्विया खंयच्याय वेळार येवन मेळटाली.

टिचर पीपी बामीण, प्रयोगशाळावाली माद्र चाड्डी! टिचर सिल्विया मात आपली जात कोणाक दाखोवन दिनासली. मात ह्या त्रिकुटाचीं कर्मां एक आसलीं. सैतान तांच्या तकल्यांनीं केन्नाय भितर सरून राशींनी पिलां काडटाले. हे सैतान केन्ना आपली तकली वयर काडीत आनी केन्ना कोणाचे फाटीक लागून तांकां रेबकोंडांत धुकलून दीत, ताचो नेम नासलो.

खरें म्हळ्यार आश्रमांतल्यो माद्री म्हणचे देवदूत, देवाचें राज्य चलोवपाचें काम तांचें. चडांत चड माद्री, देवान आपल्याचेर सोंपयल्लें काम उत्तम रितीन करताय बी. पूण कांय मनशां अशीं आसतात की तांकां कितलेंय धर्मशिक्षण दी ना तर नितीमत्तेचे धडे दी, तीं आपलें तें सोडपाक कशींच तयार नासतात.

शाळेंतल्या लॅबांतली माद्र कॉन्वेंटच्या माद्रींची वांगडी आशिल्ल्यान ती थंयच्या माद्रींच्या एका गटाची फुडारी आसली. अर्थात हो गट सिस्टर प्रिन्सिपलीच्या आड वावुरतालो.

माद्री सोडून हेर टिचरींचोय एक वेगळो गट आशिल्लो. हो गट टिचर पीपीच्या फुडारपणा खाला वावुरतालो.

टिचर सिल्वियाचो मात खाशेलो असो गट नाशिल्लो. गरज पडल्यार ती कोणाल्याय गटांत घुसताली. तो मागीर पीपीचो गट जावं ना

तेंच खरें म्हणपाची संवय आशिल्ल्यान, काम बिगडटालें.

कुटुंबाचें जावं ना तर समाजाचें, बरें करतल्याक खूब कितें सोंसचें पडटा. बेफिकीर रावून सूख भोगपाचें सोडून दुर्ग्यान गंभीरतायेन आपणे जावन दुख्खाक वेंग मारिल्ली. तें आतां बंगल्यार एकटें पडिल्लें. मांयच्या भंयान बंगल्यावेल्या लोकांनी आनी शेजाऱ्या पाजाऱ्यांनीय पयस केल्लें दुर्ग्याक! मांय-सुनेच्या तंटयांत पडऽ नासतना आपले मेरेंत रावपांतूच शाणपण आसा, अशें दिसूंक लागिल्लें-सगळ्यांक.

गजेंद्रय आतां पयलीं भशेन दुर्ग्याक लागीं रावनासलो. ताकाय कारण शीला आसलें. गजेंद्राक दिसतालें, शीलाक लागून दुर्गें आपल्याक पयस करता. आपल्याक कितें जाय नाका हाचेकडे दुर्ग्याचें दुलक्ष जावंक लागलां आनी हाका कारण शीला. शीला नासलें तर गजेंद्र आदले भशेने सुखान वावुरतलो आसलो.

अर्थांत गजेंद्राक आतां आवय आसून नासली. ताच्या मत्तान दुर्गेंय ताका पयस जाल्लें. हें सगळें घडलां तें शीलाक लागून.

चलये पावटी ताका चलो जाल्लो जाल्यार अशें घडचें नासलें. आपल्या नातवाक घेवन काशीबाय बंगलोभर नाचतली आसली. काशीबाय नाचता म्हूण बंगल्यावेलीं हेर मनशांय खोशयेन भरतलीं आसलीं! दुर्ग्याक आपल्या भुरग्या खातीर कसलेच त्रास घेवचे पडचे नासले. ताचें सगळें काम काशीबाय व्हडा खोशयेन करतली आसली. सगळो बंगलो आनंदमय जातलो आसलो.

दादल्याचें एक सोडून दिवया. कुटुंबांत चली भुरग्यान जल्म घेतल्यार सगळ्यांत चड दुख्ख एकाद्रे बायलेक कित्याक जावचें? एके अस्तुरेन दुसरेक दोळे कित्याक फोडचे? चलो पवित्र आनी चली अपवित्र कित्याक? खंयच्या तरी ग्रंथांत बरयलां म्हणून? कोणे बरयले हे ग्रंथ? दादल्यांनी! दादल्यांच्या सुखां खातीर. बायलांक चेपणाखाला घालूंक. दादल्यांनी बरयलें आनी दादल्यांनीच बायलांक वाचून दाखयलें आनी पिशा बायलांनीं तें आयकून घेतलें.

पिशो बायलो? हय, पिशो बायलो! आयज ह्या सवसारांत शेकड्यांनी न्हय, हजारांनी न्हय, लाखांनींय न्हय तर करोडांनी बायलो पिशें पांगरून वावुरतात.

ह्या पिशा बायलांक दोळे उक्ते जाल्ल्या तांच्या बापायनी, भावांनी, घोवांनी बी सुदारपाचो कितलोय येत्न केलो जाल्यार, तांचें तीं कांयच काना-मनार घेवंक तयार आसनात. उलट हीं पिसांटां तांकां मूर्ख थारावन, तांची निर्भत्सना करून तांकां बुड्डून सोडपाचे तयारेंत आसतात. मात गांवांत ना तर गांवां भायल्या मोडक्या देवळांत एकाद्रो साधू आयला म्हूण कळ्ळ्यार हीं पिसांटां मुयां रांगांनीं धांवतलीं. त्या साधूचें उतरान उतर मानतलीं. पूण आपल्या मनशांच्या सांगण्या म्हण्ण्याचेर इल्लोय विस्वास दवरचीं ना!

एके वटेन हो समाज पुरूशप्रधान आसा. दादले आमकां हें करूंक दिनात, तें करूंक दिनात म्हूण रासवळ माचयेर आड्डेवप आनी दुसरे वटेन धर्माचो आदार ना म्हूण देवकार्यांत-धर्मकार्यांत वांटो घेवंक स्वता न्हयकारप.

खूबशा दादल्यांक दिसता, आपल्या बायलांनी सगळे तरेचीं कामां करपाक फुडें येवचें. पूण तीं कामां आमचीं न्हय, तीं कामां करपाचो अधिकार आमकां धर्मान दिवंक ना म्हूण, आंग फाटीं काडटात. असल्या बायलांक कोणाच्यान कितें करूं येता?

हांगा दुर्गे, दुर्ग्याची आवय आनी तांच्या सारख्योच कितल्योशोच उच्च विचारांच्यो बायलो समाजांत वावुरतात. तांकां देशांतल्यो समस्त बायलो सुदारच्यो अशें दिसता. बायल ही दादल्यांच्या दाव्या पायांची व्हाण म्हणून घेवपाचे दिसूय आयज उरूंक नात. अशें आसतना, कोत्या मनाच्या, भयरो जोळोप लागिल्ल्या काशीबाय सारख्या जुनाट विचारांच्या बायलांक समाज सोसून कसो घेता?

तांकां सुदारपाचें काम दादल्यांचें आनी धर्माचेंय न्हय. बायलांच्या संघटणांनी असल्या बायलांक सोदून काडून तांकां फाव ती ख्यास्त

राखून दवरिल्ल्या मोच्यांचो उपेग तिणें आतां मंत्र्या भेटेक वचूंक केल्लो. आपल्यो वालोराच्यो वस्ती वापरून मंत्र्यामुखार शो मारपाची संद टिचर सिल्विया कशी चुकयत? टुकटुक्या पांयतणांच्या तालार कमरे खालचो फाटलो भाग कसो हालता तो फाटीफुडें सरकून पळोवन घेतलो.

टिचर सिल्विया ज्यानोत न्हेसून आयल्या. मागीर टिचर पीपी कशाकशीय कशी वतली? मंत्र्याकडेन तिची वळख आसली म्हूण कितें जालें? तिचीं सगळीं कामां जातालीं तीं भावा वळखीन. आयज मात ती आपल्या भावाक कुशीक दवरून मंत्र्या म्हऱ्यांत वचूंक फुडें सरिल्ली. येदो व्हडलो मंत्री तो ! तिका आतां ताचेकडेन उलोवचें पडटलें. ताणें विचारिल्ल्या प्रस्नाच्यो जापो तिका दिवच्यो पडटल्यो. कितलीय जाल्यार टिचर ती! आपूण एक शिकिल्ली, हुशार आनी देशेंत बायल म्हूण मंत्र्याक इंप्रेस करूं नाका?

पीपीन सगळ्यांत उंची साडी भायर काडली. आपल्याक जाय आनी सोबता तशें मेकप केलें. पेटलांतलीं भांगरांशिंगरां भायर काडलीं. खरीं-खोटीं जावं तीं मागीर! सगळीं आंगार चडयलीं. गणसाबैल जावन जात्रेक बित्रेक वता तशी सरली भायर मंत्र्या भेटेक वचूंक.

दोगीय इश्टिणी एकमेकांक पळोवन खूश! दोगीय आपापल्याक सुंदऱ्यो समजताल्यो. एक हिन्दू आनी दुसरी किरिस्तांव. भेसांत वेगळेंपण. पीपी वांगडा येमू आशिल्लें जाल्यार मात इल्लें कुसमुसांव जावपाचें. जळटलीं आसलीं भितरले भितर एकमेकाचेर! बायलांचो सोबाव तो.

"सेराकोडे कितें आनी कोहें उलोवपाचें तें चिंतलां मुगो पीपी, मोकोडे जाल्यार कांय जावपा ना आं! आदीं सांगोन दवत्तां." मिनी पर्सींतल्या बोटभर आंगशान सिल्वियान आपले ओंठ चेपले.

"कोण सेर गो?"

"मोंत्री आनी कोण?"

"तूं झेतार न्हेसलां तितलें पुरो गो. तूं म्हज्या म्हऱ्यांत फकत बसपाचें काम कर. तो तुका पळेतलो आनी हांव ताका पळेतां."

खरें म्हणल्यार मंत्र्याक चिंतून उलोवपाचें काम केन्नाच जमनासलें. तोड-फोड करून जैत मेळोवपी मंत्री तो. लोक ताका वेंचून दिताले, तो बरो मनीस म्हूण न्हय. तरणाट्यांक सोरो-मांस खावोवन आनी गरीब म्हाताऱ्या कोंताऱ्यांच्या हातार पांचवीं नोटां दवरून आनी बऱ्यांक धमक्यो दिवन प्रत्येक वेंचणुकेक वेंचून येवपी मंत्री तो. शिकपाकडेन तर भुरगेपणा सावन कोंत्रसाण. तरी इंग्लीश तिसरी-चोवथी शिकून, खूब वर्सां मंत्री-आमदार म्हूण राजकारणांत वावरून एस्-फॅस करचेंच पडटालें ताका. शिकिल्ल्या मनशांकडेन तो कोंकणीचो मोग दाखयतालो आनी अशिक्षीत-अनाड्यांमदें इंग्लीश जेंटलमॅन जावन कसो भोंवचो, हें तो बेस बरें जाणा आसलो.

दोगूय इश्टीणी आतां मंत्र्या दरबारांत पावल्यो, कार्यकर्त्यांनी दरबार खचाखच भरिल्लो. मात मंत्र्याचे दोळे पीपीचे वाटेकडेन लागिल्ले. टिचर पीपी येतली केन्ना आनी इस्कोलाचे प्रिन्सिपली आड कारस्थान रचतलों केन्ना अशें जाल्लें त्या मंत्र्याक. आतां टिचर पीपीचेर नदर पडना फुडें ताचें धगधगतें काळीज शांत जालें.

ताणें दरबाऱ्यांक घरा वचपाची खूण केली आनी कळाव करिनासतना त्रिकुटान फुडल्या राटावळीं खातीर बसका घेतली.

:२०:

'यथा राजा तथा प्रजा' अशी आदले तेंपार एक म्हणणी घोळटाली लोकांच्या तोंडांतल्यान. आयज काळ बदलला. लोकूय बदलला. लोकांतल्या तोंडांतली भासूय बदल्ल्या. 'यथा राजा तथा प्रजा' म्हणपाचे सुवातेर आतां 'यथा प्रजा तथा राजा' म्हणपाचे दीस आयल्यात. प्रजा जर सुशिक्षीत आनी शाणी आशिल्ली, तर हे म्हणणेक अर्थ आसतलो आसलो. राज्यांतली लोकशाय फुलतली आसली. प्रजेचो राजाक-लोकप्रतिनिधीक-भंय दिसतलो आसलो. सुशिक्षीत प्रजेचें प्रतिनिधीत्व करपाक सुसंस्कृत आनी बरे देखीचे विचारवंत फुडें येतले

मायेची आनी उबेची सर त्या अडेच्या सुखांक येना. आवयचो इल्लोसो लेगीत पयसावो भुरग्याक दुख्खदिणो लागता.

एक दीस दुर्ग्यान शीलाक बाज्जेर एकटें सोडलें आनी तें आपल्या म्हत्वाच्या कामाक लागलें. तें वोग्गी खेळचें म्हूण म्हऱ्यांत खूबशीं रंगयाळीं खेळणीं दवरलीं. ताका दिशिल्लें शीला मोव-मोव गादयेचे उबेन सुशेगाद पडून रावतलें. पूण तशें घडलें ना. आवयची उब पयसावली हाची जाणविकाय शीलाक खिणात जाली.

सुर्वेक ताणें आपले माणकुले हात-पांय नेटान बडोवपाक सुरवात केली. कोणाचें शिंतीद ना, हें ताच्या लक्षांत आयलें. तें आतां आपले भाशेंत निशेध व्यक्त करूंक लागलें-

"ग्रा-ग्री-ग्रू, क्यांऽऽऽऽऽव...." शीलान आपले आवयक साद घालो.

"आयकलें. येतां गोऽ ऽ, वोग्गी खेळ थंय." दुर्ग्यान वॉशींग मशिनांतल्यो फाळयो आनी आंगलीं पिळीत जाप दिली.

"हें-हें-हें, क्क्यांव!" शीलान मुठी आवळीत राग्गान दुसरो उलो मारलो. रडटा थंय रडूंनी म्हूण दुर्गें आपलें काम करीत रावलें. वावराडी शीलाचे कपडे चोळीनासतना वयल्या वयर झंजळोवन काडटा. दुर्ग्याक तें मानवना म्हूण स्वता धुतालें.

इतलें रडून आनी बोवाळ करूनूय आपलें कोणूच कोंत करिनात म्हूण शीलान आपल्यांतली सगळी शक्त एकवटावन, टें-टें-ट्यांव-ट्यांव केलें आनी मागीर ताळो खरांटून लागलें मोठ-मोठ्यान किळांच्यो मारूंक. लोकशायेचो वास लागिल्ल्या ह्या बोटभर पोराक कळ्ळें आसतलें, ह्या संवसारांत बोब मारल्या बगर कोणाक कांयच मेळना.

पूण ह्या बंगल्यावेलो संवसार ताचेर कोंत्र आसा, हाची जाणविकाय ताका जालिना. तें रडत रावलें. ताका उखलपाक कोणूच धांवून आयलोना. काशीबाय बंगल्यार नाशिल्ली तर मात शीलाचेर इतलें रडपाची पाळी येवची नासली.

शीला रडून आकांत करता तें आयकून दुर्ग्याचें काळीज कळवळ्ळें तरी तें आपलें काम सोडून शीला म्हऱ्यांत गेलें ना. ह्या वेळार ताका घरभर लोकांची परिक्षाच घेवची आसली.

शीला रडून आकांत करता आसतना काशीबाय आपले कुडींत बसून दुडवांचो हिशोब करताली. बरोच वेळ शीलाच्या रडपाचो तिचेर कसलोच परिणाम जालो ना. मागीर मात शीलाच्या रडपाचे सूर काशीबायच्या फातराळ्या काळजाचेर रस्तीन थोकणां मारूंक लागले. त्या थोकणांनीं तिचें काळीज मोव जायत रावलें. शेकीं तें इतलें मोव जालें की तिच्या काळजाच्या कोनशांत खंय तरी लिपून बशिल्लें मनीसपण जागें जालें. काशीबायन हातांतले दुडू थंयच सोडले आनी ती धांवून बद्द शीला म्हऱ्यांत आयली. तिणें शीलाक उखलून अचळय वेंगेंत घेतलें. मागीर कळटां न कळटां तिच्या तोंडांतल्यान 'आले-ले-ले-ले...' हीं उतरां भायर पडलीं. हो अनवळखो आवाज आयकून आनी काशीबायचें खुमणें पळोवन, शीला खिणांत रडपाचें थांबलें. कपलार मिरयो घालून आनी तोंडाचो चेंबू करून शीला काशीबायच्या चेऱ्याकडे केदो वेळ पळेत रावलें. शीला पळेता आनी काशीबाय वयेंवेल्या शेड्ड्यावरी, तकली हालोवन आपल्या दातांमदलें खांवटें दाखयत रावली.

येदो वेळ घर माथ्यार घेवन रडपी शीला खिणांत थांबलें. आख्ख्या बंगल्यार किण्ण पडलें. हें अशें घडलें तें पळोवन दुर्गें अजापलें. बंगल्यावेलो एकानएक असामी, पयस रावन, दोळे विस्कावन, अजापीत जावन पळोवंक लागलो. सगळ्यांक सूर्य अस्तमेक उदेला सो दिसलो.

दुर्ग्याक मात व्हडलेंशे कांयच दिसलें ना. हे घडणुकेची तें वाट पळेतालें. एक ना एक दीस, पयसावल्लें रक्त, आपल्या रक्ताक ओडून घेतलें हाची दुर्ग्याक पुराय खात्री आसली.

आजी-नातीचो संवाद आयकूंक दुर्गें थंय चड वेळ थांबलें ना. मुमुरख्यां हांसत, आंगलीं-फाळयो फांफडीत दांडयेकडे गेलें.

''सूनबाय, मात्शी भायर यो गे बाये...''

''कितें जालें आई!''

''हें पळे, हाणें कितें केलां तें.'' काशीबायन सुनेकडे नातीची कागाळ केली.

''आंवय-आंवय, कितें गो बाये हें! विटयलें गे बाये हाणें. आतांच धुवन-पुसून हाडून दवरिल्लें. परतेंय सगळें बडबडावन मेकळें.'' दुर्गे तणतणलें.

''गर्रर ऽऽ गर्रर ऽऽ, किकीक्'' पगड्या शीलान आपले आवयक पळोवन किलकाऱ्यो मारूंक सुरू केल्यो.

''पेनता पळे कशें नाचरें.'' काशीबायन नातीचें कवतूक केलें. पूण हें कवतूक दुर्गाक मानवलें ना. हांसून-खेळून उकतेपणान जिवीत सारपाचीं लक्षणां आसपावल्लीं शीलाच्या हासपांत. काशीबायक मात हीं लक्षणां फुलग्याचीं दिसतालीं. तिचे दिश्टीन तीं बऱ्याचीं नासलीं. चलयांनीं चल्यां सारखें हांसचें न्हय, गंभिरतायेन आनी मेर राखून चलयांनी वागूंक जाय, असल्या मत्ताची आसली काशीबाय.

काशीबायची शीलाकडे वागपाची तरा दुर्गाक मानवनासली. काशीबाय शीलाचो तिरस्कार करताली, ताचेपसून पयस रावताली, हें ईश्वराचें वरदान समजतालें दुर्गे. असल्यांनी शीला, काशीबायच्या जुनाट संस्कारां पसून पयस उरतलें, आनी आपूण ताका नव्या वातावरणांत मेकळेपणान जगपाक शिकयतलें, अशें चिंत्तालें दुर्गे.

पूण दैवान शीलाचेर काशीबायची सावळी घाली. आतां दुर्गान कितलेय येत्न केले, तरी काशीबायच्या रूपान शीलाक लागिल्ल्या गिराणाच्या काळखांतल्यान ताका भायर काडप शक्य नासलें.

काशीबायक जर आनीक एक चलो वा चली आशिल्लें तर, बंगलो आनी सगळी गिरेस्तकाय काशीबाय वांगडा सोडून दुर्गे कुशीक सरतलें आसलें. शीलाहून ताका कसलेंच व्हडपण आनी गिरेस्तकाय मोलाची नासली. देवान पदरांत घाल्ल्या भुरग्याक बरे देखीन वाडोवन, आपल्या

फाटल्यान एक बरो नागरीक निर्माण करून दवरप, हातुंतूच ताच्या जिवीताचें सार्थक आसा, अशें ताका दिसतालें. हे बाबतींत घोवाचोय तेंको ताका आसपाचो.

"आई, बायक बरेशा दोतोराक दाखोवचेंशें दिसता म्हाका. गजेंद्राकय म्हणून दवरलां हांवें."

"म्हज्या मनांतलेंच उलयलें बाये तूं! ह्या चार दिसांत हुशार अशें दिसना पोर." काशीबायन काळजी उक्तायली.

"तशें हांसता-खेळटा बी बरें गे. मात्शें पोटांत बिगडल्याचो दुबाव येता. दूद बरें ऽ घेना पोटांत. सांजेवेळार व्हरचें म्हण्टां हांव. तुमी येतात न्ही वांगडा? तसो भंय ना गे. पूण ओगीच हयगय कित्याक?"

"तें कळ्ळें म्हाका. खंयच्या दोतोराकडे व्हरूंक सोदता तूं?"

"शारांत एक बरो ऽ भुरग्यांचो स्पेशलीस्ट आयला गे. ताका दाखोवया म्हण्टां. सांगलां हांवें गजेंद्राक ॲपोयंटमेंट घे म्हूण."

"शी ऽऽ..... स्पेशलिश्ट-बिशलिश्ट कांय नाका गे बाये. ह्या स्पेशलिश्टांक भुरग्यांचें कितें कळटा गोबोर?" काशीबाय आकांतून उलयली.

"भुरग्यांचोच दोतोर आई तो."

"जावं कोणूय मसणो. नाका तो आमकां?"

"म्हणटकूच अशेंच आसूं दी ताका?" दुर्ग्यान बाबडें ऽऽ जावन प्रस्न केलो.

"कित्याक अशेंच आसूं दी, आनी उपाय कांयच ना तर? कालचो पेपर वाचला मगे तुवें!"

"कितें आयलां कालच्या पेपरांत?"

"शारांत एक नामनेचो संन्यासी आयला खंय. एके बिबुतीन सगळीं दुयेंसां नाच्च करता. ते भायर गळ्यांत घालूंक एक दोरोय दितात खंय, संन्यासी म्हाराज. दोरो दिश्टीक एकदम बरो."

"दिश्ट कोणाक जाल्या गे आई?"

"ह्या म्हज्या भांगरा कुडक्याक जाल्या. गोरें-गोरें बाय म्हजें. दिश्ट कित्याक लागची ना कोणाची?"

दुर्गे आतां कितें समजूंक जाय तें समजलें. आपणें बंगल्यावेल्या लोकांची परिक्षा घेतली आनी परिक्षा घेवपी आपुणूच नापास जालें. मांयक अकस्मात नातीचो पुळको आयलो आनी आपल्या काळजा कुडक्याचें भविश्य काळखा कुडींत धुकलून दिवपाचो प्रसंग आपल्याचेर आयलो म्हूण ते रडचे देगेर पावलें.

:१३:

मनीस आपल्याक जाय तशें जालेंना जाल्यार जळफळटा, आपट-धपट करता. रागान तामसेता. मेळत ताचेर खेकसता-ताणसेता. तो तेन्ना मनीस आसना. पिसावल्ल्या सुण्यावरी गत जाता ताची!

काशीबायचीय तीच गत जाल्ली. आपल्याक देवान आनी मनशांनी फटयली. देवळांतले लामणदिवे तेलांनीं भरले, मनांत येता तेन्ना आनी याद जाता तेन्ना फुलांनी आनी भांगरां शिंगरानी देव सजयले. इतलें करून देवांनीं मात आपलें कांयच काना-मनार घेतलेंना, अशी तिची पुराय समजिकाय जाल्ली. हेच करणाक लागून तिणें आतां देव-देवतांकडे फाट करपाचें थारायलें.

अशें आसलें तरी कुडिचीं दारां बंद करून केन्ना लेगीत बसतली आसली काशीबाय? तिच्या आंगांत जीव वळवळटालो. एके सुवातेर पडून रावपाचे दीस अजून येवनासले तिचे. सोयऱ्यां धायऱ्यांकूय ती नाका जाल्ली. गजेंद्राच्या लग्ना उपरांत शेजारीपाजारीय तिका दार उक्तें करपाक अनमनताले. मानाय, वावराड्यो आनी बंगल्यावेल्या हेर कामवाल्यांचेर शेक गाजोवन तिका आतां पुरो जाल्लें. ह्या लोकां मुखार, दांत काडिल्ल्या सोरपाभशेन तिची गत जाल्ली. बिळाच्या दारार कोंडाळें करून बसून, फोंसां घालपा इतलीच ताकत उरिल्ली काशीबायंत.

तरी तिका उरिल्लें जिवीत खोशयेन आनी समाधानान सारूंक जाय

आसलें. घरांत समाधानान जगतली जाल्यार, सूखसंवाद सादतली जाल्यार तिका तोला-मोलाच्या मनशांची गरज आसली. घरांत तर ती सोडून आनी दोनूच मनशां आसलीं -पूत आनी सून! पुताचें तिचेकडें रमनासलें. सुनेचें जमतालें, पूण वयल्या वयर कितेंय सांगलें जाल्यार सून ना म्हणनासली. तें ती अमलांत हाडटलीच हाचो नेम नासलो. सुनेक जाप विचारपूय मांयक परवडपाचें नासलें. तेन्ना काशीबाय सांगता तें आयकुपी, तिका मान दिवपी, तिच्या मतांत आनी साच्यांत बसपी, ती मेल्या उपरांत तिची याद लोकांक करून दिवपी कोणाचीय तरी एकाची गरज आसली काशीबायक. आपली माये-मोगाची नात म्हूण न्हय तर आपले गरजेचें एक खेळणें म्हूण शीलाक लागीं केलें काशीबायन!

आमच्या सरभोंवतणच्या सैमांत ईश्वरान दिव्यत्व पातळोवन दवरिल्लें आसा. हें दिव्यत्व जेन्ना मनशाचे नदरेंत भरता, तेन्ना मनशाक आपोआप सूख भोगता. हें दिव्यत्व अत्रतत्र सर्वत्र भरिल्लें आसता. तें निकतें जल्माक येवन हात-पांय हालोवंक लागिल्ल्या सुण्या-माजरांच्या पिलांनी आसता तशें तें दुकरांच्या पेट्यांनी लेगीत आसता.

काशीबायची नदर जेन्ना शीलाचेर पडली, तेन्ना तिचे नदरेंत भरलें तें हेंच दिव्यत्व! ह्या दिव्यत्वाचे ओडीन काशीबायचें मन शीलाच्या मनाक दसलें. दोनूय मनां एकठांय जालीं तीं दोशी करपाचें काम ना काशीबायक जमलें, ना दुर्ग्याक! कारण तें दसप आकाशदिव्याक कागदां दसयतात तसलें नासलें. तें आसलें ईश्वराचें कर्म.

शीला आतां दिशीं-दिशीं वाडीक लागलें. मुळचेंच तें गोरें-गोमटें आनी सगळ्या आंगांनी सुंदरकायेन भरिल्लें. कान-दोळे, नाक ओंठ बी पळेत रावचेंशें दिसतालें पळयतल्याक. हात-पांय तर जश्यो भांगराच्यो कांडयोच!

भुरग्याचे पांय पाळण्यांत दिसतात म्हणटात. आवयचो एक सात्वीक गूण सोडलो जाल्यार, शीलाचे हालचालींत सगळें वेगळेंच कितें तरी जाणवतालें. चडशीं सान भुरगीं आपल्या म्हऱ्यांत आयिल्ल्याच्या

चेऱ्यावेले भाव वळखनात. एकाद्रो राकेस लेगीत म्हऱ्यांत आयलो तर ताका पळोवन तीं फक्त हांसपाचें काम करतात.

शीला हांगा फक्त आपले आवयक पळोवन हांसतालें. बापायक दोळे बिटबिटावन पळेतालें. बापायन मात्शी सलगी केली तर मात हात-पांय हालोवन चेऱ्यार मंदशें हांशें हाडटालें.

काशीबाय आनी शीलाचो संबंद मात विचित्रसो चालीक लागिल्लो. काशीबाय म्हऱ्यांत येता तेन्ना शीला आपल्या सोबावा प्रमाण हांसतें तोंड करतालें खरें, पूण तें रोकडेंच बदलतालें. काशीबायच्या तोंडांतल्यान उतर भायर पडटांच ती गणसाबैला भशेन तकली हालयताली. तेन्ना शीलाच्या तोंडाचो आपसूक बोचो जातालो. रडकुऱ्या चेऱ्याचेर, कपलार पुसटशो मिरयो झळकताल्यो. ताचे हात-पांय निश्चल जाताले. काशीबाय म्हऱ्यांत आयिल्ल्यान शीलाक मातूय खोस भोगनासली. ताकाय कारण आसलें. काशीबायक शीलांतलें दिव्यत्व जाणवतालें, पूण शीलाक तें काशीबायंत दिसनासलें. आज्जेच्या मनांतली ओलसाण नातीक दाखोवंक हांगा उणी पडटाली काशीबाय!

शीलाक आजी मानवनासली तरी तें तिका पयस करूंक शकनासलें. काशीबाय ताका जबरदस्तीन धरताली आनी खेळयताली. शीला आपल्या मना आड सोंसतालें तिका. सुर्वेक तें रडटालें, पिंजळटालें. उपरांत ताचें शिंतीद कित्याचेर तरी वतालें आनी ओगी जातालें.

जणेका आवयचीं आपल्या भुरग्याविशींचीं सपनां आसतात. आपलें भुरगें समाजांतल्या हेर भुरग्यां मदें परजळचें, तें बुदवंत आनी लोकांचे आवडीचें आसचें अशें आवय-बापायक दिसता. ते खातीर चड करून आवयचें आपल्या भुरग्याचेर शिंतीद आसता. दुर्गें सुशिक्षीत आवय-बापायगेर जल्मल्लें आशिल्ल्यान, कसलोच भेदभाव दवरिनासतना आपले चलयेक तें वाडोवंक सोदी. पूण सासूमांयचें आडमेळें ताच्या सामकाराक उबें आशिल्ल्यान दुर्गाचे हात बांदिल्ले आसले. सासूमांय आनी बंगल्याची जापसालदारकी ताचेर नासली तर दुर्गें आपली

मोख सादतलेंच आसलें. काशीबायची आडखळ पयस जाता म्हणसर शीलाचें वय वाडटलें. लोखंड तापिल्लें आसतना, ताचेर घणाचो मार बसल्यारूच ताका आपल्याक जाय तसो आकार दिवंक मेळटा, हाची पुराय जाणविकाय दुर्ग्याक आसली. तरी मनांत आसुनूय दुर्गे आपल्या भुरग्या खातीर कांयच करूंक शकनासलें. आपल्या आवय-बापायन आपल्याचेर केल्ले सुसंस्कार तें आपले धुवेचेर करूंक शकनासलें, हाची खंत ताका भोगताली.

शीलाक आता एक वर्स पुराय जावंक आयिल्लें. ह्या एक वर्सांत शीलाची खूब अपुर्बाय जाल्ली. बापायन खेळण्यांच्यो राशी घाल्ल्यो बंगल्यार हाडून! आवयन आपले इत्से प्रमाण कपडेलत्ते करून हौस भागोवन घेतली. आज्जेच्या मनांत नातीविशीं कितेंय आसूं तें मागीर. तिणें आपले दोंगरा येदे गिरेस्तकायेंतली नाकूटभर गिरेस्तकाय आपले नाती खातीर खर्च करपाचें थारावन आपली हौस भागोवन घेतली. तिणें खासा शेटीकडे वचून कोण्णाक सांगनासतना शीलाक भामा करून घेतलीं.

"सूनबाय, बायक न्हाणोवन जातकूच सांग आं म्हाका. न्हातकूच रोकडेंच न्हिदता न्हय तें, म्हूण सांगतां."

दुर्गे दुबावलें. काशीबाय शीला खातीर आपलें म्हूण मदें-मदें कितें ना कितें करूंक सोदता. केन्ना ताच्या मुखार धूप घालता, केन्ना दोळ्यांत चरचरीत काजळ घालता, केन्ना गालांक आनी कपलाक काळें फासता. पूण हें सगळें नवें नासलें दुर्ग्याक आनी शीलाकूय. शीलाक न्हाणोवन जातकूच काशीबाय आपूण जावन धांवून येताली हें सगळें करपाक.

दुर्ग्याक तें मानवनासलें. कारण धुपा धुंवरान शीला घुस्मट्टालें. काजळान ताचे दोळे जळजळटाले. मागीर तें मोट्यान किंचाळटालें. रडून जातकूच दोळे चोळिल्ले हात आपसूक ताच्या गाला-पोल्याचेर भोंवताले. गोरे कातीवेली काळसाण पळोवन काशीबाय खी-खी-खी करीत थंयच्यान पळ काडटाली. दुर्ग्याक तें साप्प मानवनासलें. आपले धुवेचे जाल्ले हाल पळोवन दुर्गे भितरले भितर तडफडटालें. पूण तें कांयच

करूंक शकनासलें.

आयज तसलेंच कितें नवें बी करपाचें थारावना मू हिणें? दुर्गे मनांतल्यान कांचवेलें. तें काम सोडून काचाबूल जावन सडसडीत भायर आयलें.

"आयज खाशेलें अशें कितें आसा गे आई? बायक न्हाणोवन जातकीर कित्याक सांग म्हणटा?" दुर्ग्यान तोंडार अडेचें हांशें हाडून प्रस्न केलो.

"आसा कितें! पळेल्यार तूं चकीत जातली. तूं हांवें सांगलां तितलेंच कर." काशीबाय अधिकाराची भास उलयली.

'पळेल्यार तूं चकीत जातली' ह्या उतरांनी दुर्ग्यांतली उमळशीक वाडली. घरांत उदक तापिल्लेंच आसलें. आयज शीलाक तेलबील लावपाचे भनगडींत पडलें ना दुर्गे ! ताणें रत्न्याच्या आदारान आपल्या बायक घसघशीत न्हाणोवन काडलें. पुसून, पोव मारून ताणें ताका काशीबायच्च्या म्हऱ्यांत उबें केलें.

काशीबाय तयारेन आसली. पुताच्या पेटकाक पळोवन आतां ती उमेदीन भरली. तिणें आपल्या मनांतलें किल्मीश तात्पुरतें पयस केल्लें. आपूण आपल्या पुताल्या भुरग्या खातीर कितें तरी करतां हाचें समाधान तिच्या मुखामळार पातळिल्लें.

काशीबायन आता रंगयाळ्या विलुदाच्या कापडांत गुटलायल्लें पेटूल भायर काडलें. शीला असलें पेटूल पयलेच खेप पळेतालें. चार दिसां पयलीं शीलाकूच लागून बंगल्यार दोतोर आयिल्लो. ताचेकडेनूय एक पेटूल आसलें. तातुंतल्यान शिरींग काडून दोतोरान शीलाक तोंपिल्लें.

शीलाचे दिश्टीन काशीबाय एक वायट बायल आसली. तिणें ताका खूबदां दुखयलां. हात-पांय कोणाक तरी घट्ट धरूंक लावन तोंडांत कोडू-कोडू वखद रकयलां. काजळ घालून दोळे दुखयल्यात. आताय ती सोबीत पेटूल दाखोवन, आपल्याक दुखोवपाचीं कसलींय तरी अवचिन्नपणा करता जावंये, अशें शीलाक दिसलें.

शीला भियेवन रडपाक पावलें. ताणें तोंड उकतें केल्लें मात, काशीबायन 'आले-ले-ले-ले-ले' करून पेटलांतल्यान एक-एक भामे भायर काडलें. शीलान चिंतलें, हें कितें नवें आनी अजापाचें आसा. आज्जेच्या म्हऱ्यांत गेले बगर कितें तें कळचें ना. बरें कितें आसल्यार खेळूंक उपकारतलें म्हूण तें एक-एक पावल, भियेत-भियेत आज्जेकडेन सरकूंक लागलें.

काशीबायन शीलाक ओडून आपले मांडयेर घेतलें. पेटलांतली एकेक वस्त काडून हाता-पांयांक, कानाक आनी कमराक चडयली. शीलानूय तिका तशें करूंक दिलें. ल्हान जालें म्हूण कितें जालें? शेकीं चली भुरगेंच तें! सहज प्रवृत्तींत भांगराचो सोस आसतलोच.

काशीबायक दिशिल्लें, भांगरान भरिल्ले आपले धुवेक पळोवन दुर्गो खोशयेन भरतलें. पूण तें निर्शेलें. भितरले भितर फणफणलें. ताका नाका आसलें आपलें सानुलें गणसाबैला सारकें सजिल्लें. बायलांनी भांगराची गिरेस्तकाय आंगार घालून मिरवपाचे दीस आतां फाटीं पडिल्ले. आयज समाज मनशाचें गिन्यान पळोवन ताचें मोल थारायता. शीलाक एकदां भांगराची गोडी लागली तर ताच्या मनीसपणाक धोको लागत, हाचो भंय दुर्ग्याच्या मनांत आसलो.

''आई, आयज अकस्मात बायक भांगरांनी भल्लां शें!'' दुर्ग्याच्या तोंडांतल्यान निर्शेल्लो सूर भायर पडलो.

''अकस्मात न्हय आं, केन्नाय तरी सुरवात करूंकूच जाय आसली. म्हळें आयज करूं या. चली भुरगें गरगर करून वाडटलें. आतांच ओड लायिल्ली बरी.'' काशीबाय आपले भितर गणगणली.

''एक सरपळी पुरो आसली गळ्यांत. असो गणसाबैल करपाची गरज नासली.''

''गणसाबैल करून लोकांल्या दारांत भोंवडावपाची ना हांव ताका. म्हजो जीव आसा म्हणसर भांगरां-शिंगरांनी भरिल्लें पळोवंक जाय म्हाका ताका. फुडलें कोणाच्यान सांगूं येता?''

“आतांच्या भुरग्यांक भांगरां कोण घालततात गे!”

“ऐपत आसूं नाका? म्हजी नात भिकाऱ्यागेर जल्माक येवंक ना आनी गिरेस्तकायेचें तेज चेऱ्यार येतलें जाल्यार, भुरगेपणांत सावन गिरेस्तकायेन रावपाची संवय लावपाक जाय मनशाक.” काशीबाय आपलें तत्वगिन्यान उलोवन गेली.

काशीबायलें तत्वगिन्यान दुर्ग्याक पटऽसारकें नासलें. आनी काशीबाय आपलें तें सोडूंक तयार नासली.

“आई, आमचें बाय आतां एक वर्साचें जालां. एका जाग्यार बसून रावपी गे तें? हांगचें थंय, थंयचें हांगा. येत्या-वत्याचें घर आमचें. आयज-काल कोणाक पातयेवंक येता गे?”

“हें तुगेलें पट्टा म्हाका. तशें जाल्यार, गळ्यांतली सरपळी सोडून हेर सगळ्यो वस्तू दवर काडून. कसल्याय सणासुदीच्या वेळार घाल्यार पुरो.” वेव्हारी काशीबायन सुचोवणी केली.

“हय व्हय आनी आठ दिसांनी ताचो वाडदीस आसा न्हय गे? राजकुंवरीक सजयतात तशी सजयतलें हांव तुमचे अपुर्बायेचे नातीक.” दुर्ग्यान मांयक फुलयली.

शीला दोगांयचे संवाद एका जाग्यार उबें रावन मोन्यानी आयकतालें. आपली आजी आनी आवय कितें उलयतात तें ताका समजनासलें. तरी तांच्या चेऱ्यावेलो भाव ताका समजतालो. तीं दोगांय आपल्याविशीं उलयतात, हें ताका कळटालें.

दुर्ग्यान शीलाक हाताक धरून ओडीत आपले कुडींत व्हेलें, ताच्या आंगावेलीं सगळीं भामां झडाझड देंवयलीं. चुकीन गळ्यांतली सरपळीय काडली.

आपले आवयची ही करणी शीलाक मातूय मानवली ना. आज्जेन आपल्याक भांगरान भरलें आनी आवयन तें सगळें देंवयलें.

आंगावेल्या भांगराक पळोवन खोशी जाल्लें शीला आता साप्प निर्शेलें. आपले आज्जेन घाल्लीं भामां मां न काडून दवरलीं. शीलाक

तीं खूब आवडटालीं. 'माँ न कित्याक काडलीं तीं? आजी बली मां कुक्की', शीलान पयलीं बोचो केलो. मागीर हुयेली मारून आख्खो बंगलो गाजयलो. काडिल्ली सरपळी गळ्यांत परती घाली तेन्नाच तें हुंडके मारून थांबलें.

शीला निर्बुद्द. ताका आवयल्या मनांतलें बरें वायट कशें कळटलें? दुर्ग्याक भुरग्याचें मन कळटालें. शीला मुखार तें चुकीचें वागिल्लें हाची जाणविकाय ताका आशिल्ली. पूण तें तशें वागूंक नासलें तर काशीबायलें फावतलें आसलें.

संवसारांतलीं चडशीं भुरगीं निश्काळजी आसतात. तांकां जाय तें गावलें, जिबेर गोडशें पडलें तर तीं खूश! पूण कांय भुरगीं अशीं आसतात कीं घडये-घडये तांचो स्वाभिमान जागो जाता. तांकां कोणेंय दुखयलें आनी उपरांत तांच्या हातार, तांचे आवडीचें कितेंय उडयलें, तरी तीं तें हातांत घेवन भायर मोखून मारतलीं. असल्या वेळार 'भायरें जा तूं' अशें म्हूण ताका वाऱ्यार सोडून चलचें ना. अशें घडलें जाल्यार हो बोटभर जीव तुमचो जल्मभर माडा येदो दुस्मान जावन तुमचो डूख धरून बसतलो.

शीला जात्याच स्वाभिमानी आनी न्यायबुद्दीचें. आजी ताका कोडू लागतालीच. पूण गोड आशिल्ले आवयंतूय ताणें आयज कोडसाण अणभवली. एकटी नाका आसले पदार्थ काना-दोळ्यांनी आनी नाका-तोंडांत घालून सतायता आनी दुसरी कोणेंय दिल्ल्यो आवडीच्यो वस्तू काडून घेता. शेकीं कितें? दोगीय आपल्यो दुस्मानूच. दोगींकूय पातयेवन चलचें ना.

आज्जेन आतां शीलाक कितेंय दिवं-खाण जावं ना तर खेळणीं! आवय पसून तें आतां लिपोवन दवरूंक लागलें. आपूण आवय पसून जें कितें लिपयतां, हाचो पत्तो तें आपले आज्जेक लागूंक दिना जालें.

भुरग्यांचे बाबतींत आमी खूबदां चुकीचो समज करून घेवन बसतात. खरें म्हळ्यार भुरग्यांक जाणट्यां इतलें नासलें, तरी खूब कितें समजता. ताका लागून भुरग्यांच्या जल्मा पसून आवयन आनी उपरांत

घरांतल्या हेर मनशांनी भुरग्यां मुखार शादूर रावपाची चड गरज आसता. भुरग्यां म्हऱ्यांत रावतल्यान प्रसन्नतायेन, नमळतायेन, सात्वीकतायेन आनी आवाजांत गोडसाण हाडून वावुरल्यार ताचो भुरग्याचेर बरो परीणाम जावन तो जिविताचेर निमणे मेरेन तिगून उरता. हाची जाणविकाय आशिल्ली घरांतली दरएक बायल मनीस आसली तरूच तो घराबो सुसंस्कारीत जावंक पावता. आमच्या देशांतल्यो चडशो बायलो अशिक्षीत आसून लेगीत सोंशीक आसात. तांचें लक्ष भुरग्यांचेर आसता. तांकांच लागून आयज आमची भारतीय संस्कृताय तिगून उरल्या. सोंशीक बायलांक तांची कदर करचीच पडटा.

:१४:

दुर्ग्याचे इत्से प्रमाण शीला मराठी शाळेंत चवथी मेरेन शिकलें. सरकारी प्राथमीक शाळो कण्णम आसतात. तांकां आवय-बापूय कोण्ण नासता. बाई आनी मास्तर करीत ती पूर्व दिशा. उदक-पाणयांची, खेळा मैदानांची वेवस्ताय सारकी आसना ह्या शाळांनी. ते भायर मडगांवां सारक्या शारांत सगळ्या जातींचीं भुरगीं भरतात शाळांनीं. मराठी शाळांनीं हिंदू सोडून हेर धर्माचीं भुरगीं आसनात. तरी गरिबांलीं वेगळ्या-वेगळ्या सोबावाचीं, मस्तीं भुरगीं भरतात मराठी शाळांनी. गणवेस नाशिल्लीं, गरिबकायेचें दर्शन घडोवपी भुरगीं.

दुर्ग्याक आनी गजेंद्राकूय मराठीचो मोग खूब. मराठीच्या मोगाक लागून, येद्या व्हडल्या गिरेस्तालें चली खडबडीत जमनीच्या, वण्टींक रंग नाशिल्ल्या, भदऱ्या शाळेंत वचून मोडक्या बांकांचेर बसतलें? ह्याच कारणाक लागून गजेंद्र आपल्या मना आड शीलाक मिशनऱ्यांच्या इंग्लीश स्कुलांत घालूंक सोदी. पूण दुर्ग्याच्या हट्टाक लागून ताणें तशें केलें ना.

गजेंद्राकडे आपल्याक जाय तितलो दुडू मोडपाची तांक आसली. ताणें कितेंय सांगलें जाल्यार तें आयकुपी ताचे इश्टूय उणे नासले मडगांवांत. ताणें आपल्या कांय इश्टांक एकठांय केले. तांच्या आदारान,

चकचकीत तिजुल्यांची भरपूर उजवाड आनी वारें घोळटा तसली सुवात फयदो केली. भरपूर पगाराचो गुरूजी नेमलो आनी मराठी प्राथमीक शाळा सुरू केली. मराठीच्या मोगा खातीर म्हणचे परस, आपलीं भुरगीं भारतीय संस्कृतायेपसून पयस वच्चीं न्हय म्हूण, मडगांवच्या एका गिरेस्त नायक घराण्यान काडिल्ली शाळा आसली ती!

ही शाळा खासगी आशिल्ल्यान, फी, गणभेस बी सगळेंच म्हारगी आशिल्लें. ही शाळा फकत गिरेस्तांल्या भुरग्यां खातीरूच आसा, अशें लोकांक पटलें. ते भायर सरकारी कसलीच मजत घेनासतना चलताली ही शाळा. ताका लागून शाळेंत खंयच्या भुरग्यांक घेवचें आनी खंयच्या घेवचें न्हय हाचो पुराय अधिकार शाळेच्या गुरूजीक मेळिल्लो.

एक म्हत्वाची गजाल अशी की शाळा गिरेस्तांली आसूं मागीर, पूण थंय जाती-धर्माक मातूय थारो नासलो. बऱ्या मनशांची बऱ्या शाळेकडच्यान जी अपेक्षा आसता, ती पुराय करपाचो एक तो प्रयत्न आसलो.

शाळा फकत गिरेस्तां खातीर आशिल्ल्यान हांगा वेगळोचार दिसतालो खरो. लोकशायेक असलो वेगळोचार मान्य ना. पूण अशे तरेन जर बरे देखीचे नागरीक तयार जाले, तर तांचो फायदो पुराय समाजाक आनी देशाक जावं येता. आमचो देश हो विविधतायेन भरिल्लो आसा. ही विविधताय मनशांनी न्हय, तर ईश्वरान घडोवन हाडिल्ली आसा. कोणाचोच दुस्वास करी नासतना, एकमेकाचेर विश्वास दवरून कर्म करीत रावपांतूच मनीसजातीचो फायदो आसा.

वेवस्थापनान 'आदर्श मराठी प्राथमिक शाळेंत' एका आदर्श गुरूजीची नेमणूक केली. तो 'मास्तर'य नासलो आनी 'सर'य नासलो. गुरूजीचें शिक्षण पळोवन न्हय, तर ताचें मन आनी काळजांतली पवित्रताय पारखून नेमणूक केल्ली ताची. शिक्षक फकत विद्‌वान आसलो म्हूण जायना. ताचो चेरो सात्वीक आनी मायेस्त आसूंक जाय. राणू गुरूजी ह्या गुणांनी संपन्न आसलो.

गडबड जाली तरी जेवण सोडून कोणेंच ना उठपाचो नेम आसलो त्या आश्रमाचो. आश्रम स्कुलाक लागीं आशिल्लो खरो, पूण ताची येवजण आनी वेवस्ता अशे तरेन केल्ली की स्कुलांचो बोवाळ आश्रमाक कोणाय भशेन बादचो न्हय. ताकाच लागून स्कुलाच्या दोन बिल्डिंगांमदें, दरवंट्याभितर पालकांनी घाल्ल्या गोंदळाची सुलूस सुर्वेक आश्रमांतल्या माद्रींक आनी सिस्टरींक लागली ना. पूण स्कूल बिल्डिंगेचे वयले माळयेवेल्या जनेलांचे हारशे फुटून तांच्यो कंवच्यो धर्तरेर पडूंक लागल्यो, तेन्ना तांचो हय-न्हय सो आवाज आश्रमांतल्या सिस्टर-माद्रींच्या कानार पडूंक लागलो. आपल्याचेर कसलेंय तरी संकश्ट आयलां हाची जाणविकाय तांकां जाली. त्यो आकांतल्यो. तरी त्यो जेवणावेल्यो उठल्यो ना आनी उठल्यो तरी त्यो कांयच करूंक शकच्यो नासल्यो.

एके वयस्क माद्रीक सिस्टर प्रिस्काची-प्रिन्सिपलीची-याद जाली. ती हेर सिस्टरीं वांगडा जेवणाक बसना. आपल्या वांगडा बसता. हे वेळार ती आपले कुडींत आसतली. तेन्ना स्कुलांत बी कितें घडटा जाल्यार तिका खबर आसूंक जाय म्हूण ती वयस्क सिस्टर प्रिन्सिपलीचे कुडींत गेली.

“बाय प्रिस्का, मात्शें देर उगोड पोवया!” सिस्टरीन प्रिन्सिपलीक नमळायेन विनंती केली.

“कितें जालें इरमां?” आश्रमांत कांय वयस्क माद्री आसल्यो. कनिश्ठ माद्री-सिस्टर्स-तांकां इरमां म्हणटाल्यो. ‘इरमां’ म्हळ्यार व्हडली भयण ह्या अर्थान.

“इस्कोलांत कोहलो बोबाव चोल्लाय गो?” ते वयस्क सिस्टरीन सिस्टर प्रिन्सिपलीक प्रस्न केलो.

“इरमां, कांय पेरेंट्स आपल्या फेल जाल्ल्या भुरग्यांक पास कोर म्हूण फाटीक लागल्याय. हायें ना मुहलां म्हूण बोबाव कोत्ताय आसतोले!”

“बोबाव कोत्ताय? ते इस्कोला हारसे होट्टाय मुगो.” वयस्क

सिस्टरीन काळजी उक्तायली.

"तुकां कोहें कोवलें इरमां?" प्रिन्सिपलीन प्रस्न केलो.

"कोहें कोवलें? हायें म्होज्या कानांनीं आयकोलां-हारशे फुटोन कोवंच्यो धोरतोरेर पोडल्या पोय त्यो."

"तोहें जाल्यार इरमां, आमी पुलिशेक कोवोयल्यार बोरें न्होय."

"आदीं कोण ते पोयतां हांव, उलोयतां तेंचे लागीं." दोगूय माद्री व्हडा नेटान भायर सरल्यो. स्कुला दारांत यो जाल्यार कितें पळेतल्यो? एकान एक वाज फोडून कयलां केल्यांत. कांय वेळ पयलीं टवटवीत आशिल्लीं फुल झाडां बावून निश्तेज जाल्यांत. आतां उलोवन कांयच फायदो जावपा नासलो. ज्या भुरग्यांक सिस्टर प्रिन्सीपल मस्तेपणाक लागून 'पनीश' करताली, तींच आतां तिका माकडावरीं केरायतालीं. चार बोडकां आसुनूय आपल्याक आटापा येवपा ना हें चिंतून प्रिन्सिपल नेटान आश्रमा दिकेने गेली. तिणें पुलिसेक फोन केलो. फोन कोणे तरी घेतलो. एका फामाद इस्कोलाच्या प्रिन्सिपलीन फोन केला तेन्ना पुलिसां कडच्यान रोकडीच कारवाय जावपाची गरज आसली. पूण पुलीस स्टेशनावेल्यान जाप आयली ती अशी-"तुमची कागाळ बरोवन दवरतां. सगळे पुलीस भायर गेल्यात, येतकच धाडून दितां."

"कितें जालें गो, धाडटाय हुंय मुगो ते पुलीस?"

"ना इरमां. पुलीस सोगले भायर जेल्याय हुंय!"

"सायबा, गुन्यांव भोगोस! तेंहां आनी हेच ओगतार भायर वोसों जाय आहलें?"

"ना इरमां, सोगली होट. कोण हुयीं वोसोंक ना. आतां माहां सोजमोलें. हें सोगलें कोणें घोडोवन हाडलां पोये तें!" सिस्टर प्रिन्सिपल खंती जावन उलयली.

"कितें म्हुणटाय गो तूं?"

"होय इरमां! हांव होरें तेंच उलोयतां. हितूं ह्या पेरेंटांचो कांय गुन्यांव ना. हें सोगलें घोडोवन हाडपाचें काम आमचेच एके टिचरीचें आनी ती

राणू गुरूजी आंगलटीन जाडो नासलो आनी शिरपुटोय नासलो. चड भुरगोय नासलो आनी म्हातारोय नासलो. तो विडी-शिगार ओडी नासलो. तो विडो-बिडो खायनासलो. मायेस्त आनी व्यसन विरयत शिक्षक मेळप आयच्या काळांत खूब कठीण! राणू गुरूजी तसो आसलो, म्हणुनूच तो खऱ्या अर्थान गुरूजी आसलो म्हणूंक फाव.

सुवाळ्याक हाजीर आशिल्ले पालक आनी सोयरे, डॉक्टर, इंजिनियर आनी वेपारी आसले. सगळेच देशेंत. तांच्या मदें राणू गुरूजी कसल्या कसल्याय भेसांत कसो वावुरतलो? येरवीं तो गांधीभक्त. वेळप्रसंगार भेंडाक वालो गुटलावन भोंवपी. पूण हांगा ताणें भुरगीं आनी तांच्या आवय-बापायच्या मानाचो आनी दर्जाचो विचार केल्लो.

आमच्या, चड करून हिन्दू समाजांत भेसाचे बाबतींत शिक्षक, भट आनी व्हंकलांच्यो प्रतिमा मनांत साठोवन दवरल्यात.

भटाचे बाबतींत सांगपाचें जाल्यार, सुळसुळीत बोडार शेंडी आशिल्लो, तांबडो मुकटो न्हेशिल्लो आनी कडकडीत शियां दिसांनी लेगीत कंबरे वयलो भाग पुराय उकतो दवरपी भट उत्तम पंडित! व्हंकलेचे बाबतींत सांगपाचें जाल्यार, एकविसावो शेंकडो उजवाडलो तरी तिणें णव वारी ना तर पांच-सात वारी साडी न्हेसून न्हवऱ्या वांगडा सव्यार बसचें, असो समाजाचो कडक कायदो. न्हवऱ्याक मात कसलोच कायदो लागना. ताणें सूट-बूट घालून साडिवाले व्हंकले वांगडा सव्यार बसचें, आनी भटान तें मुकाट्यांनी सहन करचें.

खरें म्हणल्यार, समानतायेच्या हक्का खातीर झगडपी सुशिक्षीत बायलांनीं असल्या प्रकारा आड आवाज उठोवंक जाय आसलो. एक तर तुमी पुडवें-बंडी बी तसलें कितेंय न्हेसून आमच्या वांगडा सव्यार बसात. ना तर व्हिस्तीद ना जाल्यार स्कर्ट घाल्ल्या व्हंकलांक तुमच्या म्हऱ्यांत बसोवन घेयात, अशें व्हंकलांनी न्हवऱ्यांक सांगूंक जाय आसलें, पूण ना. व्हंकलांकूच सुटबुटांतले न्हवरे शेजराक बशिल्ले जाय जाल्यार ते तरी बाबडे कितें करतले? सासूमांयकूच जर आपलो जावंय सुटांत

लिपिल्लो जाय जाल्यार?

भट हे धर्मकार्याचो गुरू आसतात. तांणीं मनार घेतल्यार, लग्नकारांक समजावन-धपकावन, तांकां आपलें निजाचें राखून दवरपाक कोमार काडूंक जाता. पूण ना. आमकां भायल्यांचें सगळेंच बरें दिसूंक लागलां. जेवण-खाण, न्हेसप-पांगरप, उठप-बसप हें सगळें तांचेंच बरें अशें आमच्या लोकांक दिसूंक लागलां.

अशें आसलें तरी राणू गुरूजी सारके, आपलो देस, आपले संस्कृतायेचो विचार करपी लोक अजून हांगा थंय शिंपडून आसात. शिक्षक जावंक फुडें सरतल्याक हेर विशयां वांगडा मानसशास्त्र आनी तर्कशास्त्र चड गरजेचें आसता. शिक्षकाक फकत सान भुरग्यांच्या मनाचोच न्हय तर वेवस्थापना सयत आख्ख्या समाजाच्या मनांचोय विचार करचो पडटा. तर्कान तांकां कितें जाय तें सोदून काडून तांकां समाधानी करचें पडटा.

राणू गुरूजीन चिंतलें. सुवाळ्याक हाजीर रावपी पालक आनी आमंत्रितांचो भेस कसोय आसूं. मराठी प्राथमीक शाळेचो 'मास्तर' सुटाबुटांतलो मानवचो ना. आदले तेंपावेले परंपरेन दोन तरांच्या भेसान वावुरताले मास्तर. धव्या पुडव्याचेर काळो कोट, माथ्याक काळी तोपी, शर्ट धवें आसुंकूच जाय अशें नासलें. तें हेर कोरांचें रिस्काद चलतालें.

दुसऱ्या भेसांतले चडशे 'गुरूजी' आसले धव्या फुल्ल पुडव्याचेर बंडी ना तर सदरो, आनी माथ्यार धवी फुल्ल गांधी तोपी.

राणू गुरूजीन मध्यम मार्ग सोदून काडलो. अर्विल्लो आनी पुर्विल्लो भेस ताणें मुजरत कुशीक दवरलो आनी नेहरूचो भेस उपेगांत हाडलो. फरक इतलोच की ताणें कपलाक उबी पिंजर ओडली. कानाक एक फूल खोयलें आनी दोनूय खांद्यावेल्यान, दोनूय पोतां फुडल्यान दिसतात तशी शाल सोडली. हो तागेलो सुवाळ्याचो खाशेलो असो भेस आसलो.

राणू गुरूजी शिस्तीचो पक्को. शारांतले व्हडले-व्हडले आसामी सुवाळ्याक येतले तेन्ना सुवाळो देखीचो जावंक जाय. शिस्तीचो जावंक



जाय. सुर्वेकूच शाळेची तोखणाय जावंक जाय. राणू गुरूजी एक कर्तुबी शिक्षक म्हूण सगळ्यांचे यादींत उरूंक जाय. आपल्याकडे ही एक भांगराची संद धांवून आयल्या, ताचो सदुपेग करून घेवंक जाय म्हूण राणू गुरूजी सतर्क रावलो.

सगळीं शिकपी भुरगीं आतां शाळेंत हाजीर आसलीं. वांगडा भुरग्यांचे पालक आशिल्ल्यान गर्दी वाडिल्ली. आयच्या पुरती सगळ्यांची बसपाची वेवस्था जावंक जाय आसली. कदेलां, बांक बी सगळें आसलें. मांडणी करपाक मनीसूय आसले. पूण मांडणी केलीच म्हूण जायना. ती गुरूजीच्या मना प्रमाण जावंक जाय.

दुर्गें शीलाक घेवन भुरग्यांमदें उबें आसलें. गुरूजीन शीलाक भुरग्यांमदें सोडून दुर्ग्याक आनी हेर पालकांक बसूंक कदेलां दिलीं.

राणू गुरूजीची आता इल्ली धांवपळ जाली. तेन्ना एक बायल गुरूजी म्हऱ्यांत येवन उलयली–

''गुरूजी, हांव मजत करूं?''

''नाका–नाका! तुमी बसात. कितें करूंक जाय तें म्हज्या मनांत आसा. दोन मिनटांत सगळें आवरून घेतां.''

''चलयांक हे वटेन आनी चल्यांक ते वटेन बसयल्यार बरें न्हय?''

''कित्याक? इल्ल्याशा भुरग्यांमदें वेगळोचार कित्याक?''

वेगळोचार ह्या उतरान ते बायलेक जाग आयली. कोणें तरी तिच्या पोल्यार सणसणीत थापट मारिल्ल्यावरी जालें तिका. ती बायल अशिक्षीत नासली. चार चोवगांत भोंवपी बायल ती. पुस्तकां वाचपी. वर्तमानपत्रां वाचपी. सभांनी वचून भाशणां आयकुपी. देवळांनी–शाळांनी सगळेकडें भोंवपी. सगळेकडें चलयां खातीर, बायलां खातीर वेगळ्यो सुवातो पळेल्यात तिणें. कांय आडवाद सोडल्यार लग्न सुवाळ्यांनी लेगीत बायलो मुजरत चोम्यांनी बसतात. दादल्यां पसून पयस.

इतलेंच कित्याक, बसींनी बायलांक वेगळ्यो सुवातो. राजकारणांत बायलां खातीर वेगळे मतदार संघ. बायलांक आनी दादल्यांक एकठांय

हाडच्या बदलाक तांकां एकामेकांपसून पयस दवरपाचेच सगळेकडे प्रयत्न चल्ल्यात. अशें आसतना ती बायल चुकीचें कितें उलयली? ती फकत जाणा आसली लोकांक मजत करप आनी लोकां वांगडा चलप. लोक कितें करतात तें मुक्काट्यांनी पळोवप.

ते बायलेन जें कितें पळेलें, तेंच राणू मास्तरानूय पळयल्लें. पूण तें गुरूजीच्या मना आड आसलें. गुरूजीक हो वेगळोचार मोडून काडपाचो आसलो. ल्हानपणांत भुरग्यांचेर केल्ले संस्कार जाण्टेपणांत लेगीत तिगून उरतात, ही गजाल राणू गुरूजीक खबर आशिल्ली. ताणें कोण चलो आनी कोण चली हें पळेनासतना भुरग्यांक दोन दिकांनी शिस्तीन उबीं केलीं.

आतां पालक आनी मुखेल सोयरे येवन आपापले सुवातेर बशिल्ले. कसलें तरी मंगलकार्य घडटा, मानेस्त लोक आयल्यात तें पळोवन आतां लागसारच्या लोकांनीय शाळेंत गर्दी केल्ली. राणू गुरूजीकूय शाळेंत गर्दी जाल्ली जाय आशिल्ली. कशेंय करून लोकांच्या पदरांत कितेंय पडिल्लें जाय आसलें ताका. आदर्श शाळा कशी आसची हें दाखोवन दिवपाचें सपन आयज ताचें पुराय जातालें.

सुवाळ्याच्या आदल्या दिसा कांय मनशांच्या आदारान ताणें शाळा सजयल्ली. हे सजवणेवेल्यान ताचे कल्पनेचो आनी फुडले येवजणेचो पळोवप्यांक अंदाज लागतालो.

राणू गुरूजीन सुर्वेक उतरांनी शिकोवचे परस चित्रांनी शिकोवपाक चड म्हत्व दिलें. ताणें सगळ्यो वण्टी चित्रमय करून सोडल्यो. हीं चित्रां ताणें जतनायेन फास्केंत घालून अशे तरेन वण्टीक लायलीं, कीं तीं शिकप्यांक सहजतायेन दिसचीं.

कसलीं आसलीं तीं चित्रां? आनी तीं लावपाचो हेत कसलो आसलो?

तीं चित्रां आसलीं देशाच्या स्वतंत्राये खातीर लढप्यांचीं आनी बलिदान दिवप्यांचीं. मुत्सद्दीपणान भारताक स्वतंत्रताय मेळोवन

दिवप्यांचीं. तातूंत भगतसिंह, चंद्रशेखर आजाद, राणी लक्ष्मीबाई , सुभाषचंद्र बोस तेच प्रमाण नेहरू, गांधी, राजेंद्र प्रसाद आनी राज्यांतल्या हेर ल्हान व्हड राजकारण्यांचीं चित्रां वण्टींचेर अडकोवन आख्खो इतिहास उबो केल्लो राणू गुरूजीन!

राणू गुरूजीक, सान-सान भुरग्यांक भारतीय संस्कृतायेची वळख करून दिवची आसली. ते पासत ताणें सगळ्या जातीच्या आनी धर्मांतल्या साधु-संतांचीं आनी देव-देवतांचीं चित्रांय लायिल्लीं वण्टींचेर. तातूंत श्रीराम आनी श्रीकृष्ण आशिल्लेच. ते भायर जेजू, बुद्ध, नानक आनी हेर धर्मांची शिकवण दिवपी चित्रांचोय आस्पाव आसलो. सुर्वेक अक्षर वळखी वांगडा, चित्रांच्या आदारान काणयो सांगून, देसप्रेम आनी देससंस्कृतायेचें गिन्यान भुरग्यांक मुळांतल्यान दिवपाची येवजण आशिल्ली ती राणू गुरूजीची.

दुडू मोडपाची वेवस्था आसल्यार विद्वानाक कितेंय करून दाखोवपाची उमेद येता. राणू गुरूजीक पयशांचो मोठो आदार आसलो. बुद्दी वांगडा हात-पांयांचोय उपेग केल्यार शिक्षणाक मोल येता, हाची कल्पना गुरूजीक आसली. ताका लागून शाळेक तेंकून एक पोरसूं आसचें हाचो हट्ट गुरूजीन धरलो आनी वेवस्थापनान कसलीच आडखळ हाडिनासतना ताका मान्यताय दिली.

पयलेंतलीं भुरगीं म्हणल्यार पांच-स वर्सांचे पिरायेचीं. हे वेळार खूबशा भुरग्यांक पाटी-पुस्तकांची जबरदस्ती आवडना. मात तांकां चित्रां पळोवंक आवडटात. तांकां काणयोय आयकूंक आवडटात. भुरग्यांनी शाळेंतलीं चित्रां पळेलीं आनी तीं खोशयेन भरलीं. खूबशा भुरग्यांक त्या चित्रांतल्या मनशांची म्हायती मेळोवंचीशी दिसली. हीं चित्रां पळोवन भुरग्यांक कितें दिसतलें, हाची जाणविकाय राणू गुरूजीक आदींच आसली. हे पिरायेवेल्या भुरग्यांच्या मनाचो थाव घेवनूच गुरूजीन हे मराठी प्राथमिक शाळेची माणणी केली. भुरग्यांच्या मनाचो विकास पुरायेन फकत आवयभासूच घडोवंक शकता, अशें गुरूजीचें पक्कें मत आसलें. आपली

शाळा एक ‘मॉडेल’ म्हूण ताणें शारांतल्या लोकां मुखार उबी केली. ती शाळा आनी शाळेंतलें पवित्र वातावरण पळोवन आपूण खंय चुकतां हाची जाणविकाय शारांतल्या लोकांक जाली. गुरूजीचेर ते खूश जाले.

राणू गुरूजी फुडे येवं नासलो तर हीं भुरगीं असले शाळेंत वचचीं नासलीं. नाइलाजान तांकां मिशनऱ्यांचे इंग्लीश शाळेंत घालपाची पाळी येतली आसली. पयली ते चवथी मेरेन सांगता तितले दुडू दिवन आनी उपरांत सरकारी दुडवांनी आपल्या मना आड शिक्षण दिवपाचें हाकाच म्हण्टात विकती पिडा आंगार ओडून घेवप!

विकती पिडा? हय विकती पिडाच ती!

लोकशाय राज्यांत जणेकल्याक आपलो धर्म आनी रीतबात राखून दवरपाचो अधिकार आसता. भुरग्यांचेर धर्माच्या आदारान बरे संस्कार घडयतलो जाल्यार, मुळाव्या शिक्षणांत धर्मशिक्षणाचो आसपाव जावंकूच जाय.

आतां ह्या देशांत धर्म वेगळे-वेगळे आशिल्ल्यान अमुकूच एक धर्म शिकयात, अशें सरकार सांगूंक शकना. मात ताका उपाय आसा. मुळाव्या शिक्षणाचो ताबो सरकारान सोडून दिवंचो. खाजगी संस्थांनी त्यो शाळो चलोवंच्यो. मात सगळो खर्च सरकारान करचो. जात-धर्माचो विचार करिनासतना, राष्ट्रधर्म आनी मनीसधर्म दोळ्यांमुखार दवरून.

राणू गुरूजीन आपलें मन जमिल्ल्या जाणकारां मुखार उक्तायलें. आनी सगळ्यांनी हयकारान तकली हालयली.

:१५:

आयज नवें शिक्षणीक वर्स सुरू जाल्लें. शीलाचें चौथी मेरेनचें मराठी शिक्षण पुराय जाल्ल्यान, ताका शारांतल्या ‘मदर मेरी’ ह्या माद्रील्या इस्कोलांत घाल्लें.

आयज तिचो पयलो दीस आसलो, नव्या वर्साचो. शीलाचें काळीज दोन दीस आदींच उत्सुकतायेन भरिल्लें. दुर्यान, नवी शाळा

कशी आसतली हाची कल्पना करून दिल्ली शीलाक! सेमानभर नवे शाळेच्योच गजाली चलताल्यो आवय-धुवे मदीं.

"माँ, ही नवी शाळा कितली पयस आसा गे?" शीलान आपली आवय उलयता तशा खणखणीत आवाजांत प्रस्न केलो.

"चड पयस ना गो बाय. आनी आसना कितलीय पयस. गाडयेन वतलें, गाडयेन येतलें. कसलीच काळजी करपाची गरज ना."

"आमचे शाळेंतलीं सगळीं भुरगीं आसतलीं थंय? आमचे शाळेंत पांचवी ना न्हय गे म्हणून विचारतां."

"मडगांवां हें एकच स्कूल आसा तर? सगळीं भुरगीं शिंपडून वतलीं. लागीं पडटा थंय-थंय."

"कांती खंयचे शाळेंत वतलें काय?" शीलान चिंतेस्त जावन प्रस्न केलो. कांती शीलाची आवडटी इश्टीण.

"हां, कांती मात तुगेल्याच स्कुलांत वतलें. ताचे आवयन मुजरत घालां ताका थंय, तुका लागून." हें आयकून शीला खोशी जालें. ताची काळजी पयस जाली. ताच्या सांगाताक ताची इश्टीण आसली. दुदांत साखर पडिल्लेवरी जाल्लें आतां शीलाक.

"माँ, मांद्रिले शाळेंत चडशो बाईच आसतात न्हय गे? कामतीलें अनू सांगतालें म्हाका."

"अनू सांगता तें खरें आसतलें. आनी हें पळे बाय, आतां तूं स्कुलाक वता. परतें परतें शाळा, शाळा करूं नाका."

"कित्याक, शाळा आनी स्कूल एक न्हय तर?"

"एकूच गो बाय, पूण आतां तूं इंग्लीशीक वता न्हय गो ! तुज्या तोंडांतल्यान ह्या फुडें चडांत चड इंग्लीश उतरां भायर पडूंक जाय. बॅग, बूक, पेन्सील, रुलर, बेंच, डेस्क, टिचर, सर बी उतरांची संवय जावंक जाय. 'बाई', 'मास्तर', 'गुरूजी' कुशीक दवर. ना जाल्यार तुका भुरगीं हांसतलीं आं."

शीलाक 'माँ'लें खरें दिसलें. तिसरेक सावन राणू गुरूजीन 'ए-

बी-सी' शिकोवंक सुरू केल्ली. कांय वाक्यांय वाचूंक शिकयल्लीं. पूण शाळेंतलें सगळें वातावरण मराठीमय आसलें. स्पश्ट उच्चार आनी स्वच्छ भास उलोवपाकडेन चड लक्ष आसलें गुरूजीचें. ताका लागून पांचवेक आता पुराय इंग्लीश वातावरण तयार जातलें, हाची कल्पना शीलाक आयली.

दुर्ग्यान शीलाक स्कुलाक धाडपाची तयारी केली. ती करता आसतना शीलाच्या कानार इंग्लीश पडची म्हूण मुजरत आपली बडबड सुरू केली. स्कूल बॅग ताणें शीलाचे मजतीनूच भरलें.

''बाय, हें बॅग उकतें कर. तातूंत हे सगळे बुक्स भर. हें कंपास बॉक्स, ही रूलर, ही रब्बर, ती पेन्सील! भरून घे बॅग.'' अशें म्हणत दुर्ग्यान बॅग भरून घेतलें. हें करता आसतना दुर्ग्यान कितलींशींच उतरां शीलाच्या कानार मुजरत घालीं.

कांय उतरां हे आदीं शीलाच्या कानार पडिल्लीं. तींय शाळे भायल्या लोकांच्या तोंडांतल्यान. मात हीं उतरां-आयज- आतां ताचे आवयच्या तोंडांतल्यान भायर पडटालीं. आवयभास नासतना अडेची आवयभास जावन. काळजांतल्यान न्हय, तर काळजींतल्यान. आपली धूव चतरायेन इंग्लीश शिकल्यारूच फुडें वतली. ना तर कॉन्वेंट स्कुलांत घालून कांयच फायदो ना, हाची जाणविकाय दुर्ग्याक आसली.

दुर्गो शीलाकडेन इंग्लीश उलोवंक शकतालें. तें इंग्लीश शिकोवंकूय शकतालें. कारण तें पदवीधर आसलें. ताचो बापूय शिक्षीत आसलो. शीलाय शिकूंक हुशार आसलें. ताका लागून खेड्यांतल्यानूच न्हय, शारांतल्या हजारांनी भुरग्यांमदें तें फुडें आसूंक शकतालें. झडझडीत वयल्या पावंड्यार वचूंक शकतालें.

माद्रिलें स्कूल आठ पंदरांक सुरू जातालें. आठ धांक सगळ्या भुरग्यांनी आनी टिचरिंनी असेंब्लीक रांगो करूंक जाय आसल्यो. आठ पंदरांक स्कुलाचो दरवंटो बंद जातालो. मागीर खिणांत इलेक्ट्रीक बेल जाताली. उपरांत पिनड्रॉप सायलंस. मागीर इंग्लीशींतल्यान ईश्वराची

प्रार्थना. कोंकणी-मराठीचें नांवूच ना. कोंकणी-मराठींतल्यान प्रार्थना आयकुपा इतलो मागास नासलो हांगाचो ईश्वर.

आतां साडे आठ जाल्लीं. गजेंद्रान गाडी हाडून दरवंट्याकडेन उबी केली. पयलीं दुर्गे गाडयेंतल्यान देंवलें. उपरांत पुस्तकांचो गठ्ठो घेवन शीला. गजेंद्र गाडयेंतूच बसून रावलो.

दुर्गे दोनूच धेंपांनी दरवंट्याकडेन गेलें. दरवंट्याकडेन उबो आशिल्ल्या शिपायाक ताणें विचारलें, ''असेंब्ली सुरू जावन कितलो वगत जालो?'' शिपाय गोंयचोच आशिल्लो, चांदरचो. ताणें नमळायेन जाप दिली-

''असेंब्ली फिफ्टीन पास्ट आठां कॉमेस जाता बाये. कॉमेस जावन साऽरकीं फिफ्टीन मिन्टां जाल्यांय. इतू वोगोत केस जालो तुमकां?'' शिपायाचें नांव किस्तोद. किस्तोदीन खालतेपणान प्रस्न केलो.

''स्कुलाचो पयलो दीस न्हय आयज, म्हणून केलो वगत मात्सो.''

''तेशें उपकोत्ता? पोयले दिसा वगयां येच्या जायें. आमगे इस्क्लां कायदो कोडोक.''

''आमकां खबर नासली तुमचो कायदो इतलो कडक आसा म्हूण! फाल्यांच्यान वगतार येतात आमी. आतां वचूं दी आमकां भितर.''

''शी-शी! म्हुज्यान धाडच्या जाता? तें केशें जावपा ना.'' लांब-रूंद किस्तोदीन आपल्याक कसलोच अधिकार नाशिल्ल्याचें दाखोवन दिलें.

असेंब्ली काबार जावन भुरगीं भितर वता म्हणसर उणींच आनी पंदरा मिनटां लागतलीं हाचो सुमार दुर्ग्यान घेतलो. तें गाडयेंत बसून आशिल्ल्या गजेंद्रा म्हऱ्यांत आयलें. आतां पंदरा मिनटां दरवंट्या भायर घालोवचीं पडटलीं, हाची कल्पना ताणें गजेंद्राक दिली.

गजेंद्राक आपली चूक कळून आयली. ह्या फुडें शीलाक धा मिनटां आदींच हाडून सोडचें पडटलें. ना जाल्यार दोन मिनटां लेगीत उशीर जालो तर ताका भायर ताटकळत उबें रावचें पडटलें. दुर्ग्याक आनी

शीलाकूय हो माद्रींले शिस्तीचो पयलो धडो आसलो.

गजेंद्र गाडयेंतल्यान भायर आयलो. आतां तीं तिगांय दरवंट्या भायर एकठांय उबीं रावन असेंब्ली पळोवंक लागलीं.

स्कुला सामकाराक आशिल्ल्या विशाळ आंगणांत ही असेंब्ली भरिल्ली. सुमार सातशीं-आठशीं भुरगीं आशिल्लीं त्या आंगणांत. जण एकल्या वर्गाच्यो दोन-दोन, तीन-तीन रांगो. जणेकले रांगे फाटल्यान वर्गशिक्षिका थंडसाणेन उबी आसली. चलयांचो गणभेसय आकर्शक आसलो. तांबडे लाल सायेचेर धवो फुल्ल ब्लावज. बॉबकट केंस हेअरबॅन्डान बसयल्ले. धव्या सॉक्सांचेर काळे शूज. भुरगीं गिरेस्तांलींच आशिल्ल्यान असेंब्ली चडूच सोबीत दिसताली.

आंगणाच्या एका पोंताक माची तयार केल्ली आसली. माचयेर एक जाडी माद्र उबी आसली. धव्या फुल्ल झग्यांतल्या माद्रींच्या माथ्यार धवें लुगट घालून ताचेर वाटकुळी उबी तोपी बसयल्ली. ह्या काळे-सावळे माद्रीच्या गळ्यांत वेंतभर खुरीस लांबतालो.

ही माद्र आसली स्कुलाची प्रिन्सिपल. तिचे कुशीक चौदा-पंदरा वर्सांचें देखणें चली उबें आसलें आनी दोगांच्याय सामकाराक मायक उबो केल्लो.

सगळे तरेच्यो स्तोत्र-प्रार्थना जातकूच माद्रीन चलयांक आपलो सदचो उपदेश केलो. उपदेशांत ती परत परत आपल्या मोगाळ जेजूचें आनी आवय मेरीचें नांव घेताली. चलयांनी जेजूच्या-मेरीच्या नांवान दिसपट्टें काम करूंक जाय, अशें ती सामकारच्या चलयांक काळजांत सावन सांगताली. अशें सांगून पवित्र किरिस्तांव धर्माचे संस्कार भुरग्यांचेर जावंचे हेंच तिचें मुखेल ध्येय आसलें.

गजेंद्रा परस चड बारीकसाणीन दुर्गे आयकतालें आनी पळयतालेंय बी असेंब्लींत कितें चल्लां तें. ताचे चलयेचें भविश्य कितें आसा, तें पांच-धा मिनटांत कळून आयिल्लें. मुळावें शिकप मराठी शाळेंत जायनासतना, तें ह्या स्कुलांत गेल्लें जाल्यार शीला कुडीन ह्या देशांत

आसतलें आसलें, आनी मनान देशा भायर.

प्रिन्सिपलीचो उपदेश सोंपतांच राष्ट्रगीत जालें. परिसरांतलें परकेंपण पयसावलें. राष्ट्रगीताच्या सुरांनी तिगांचेय मेंदू पवित्र जाल्ल्याची जाणविकाय जाली ताका. आपलेंशें कितेंय तरी घडलां, हाचे जाणविकायेन राष्ट्रगीत सोंपतांच 'अटेंऽशन' हें उतर सगळ्यांच्या कानार आपटलें. ड्रमाचेर धपके पडले. स्कुलाच्या पी.टी. सरान भुरग्यांक वर्गांत वचपाचो आदेश दिलो. ड्रमाच्या आवाजाच्या तालार भुरगीं लेफ्ट-रायट करीत आपापल्या वर्गांत वचून बसलीं.

आतां एका मिनटांत आंगण निर्मनीस जाल्लें.

"सायब, हेजेर तुगेऽ नांव बोरोय." किस्तोदीन एक चिटोरो फुडें केलो.

"म्हजें शें नांव कित्याक रे? स्टुडंट हें. हाचें बरय."

"तशें न्हो सायब, हो चिटी कुडको प्रिन्सिपाली दाखोवच्या जायो. माजीर तुकां ती येच्या सांगतोली. सायब, इंगा कायदो सामको कोडोक आहा."

"तुमची प्रिन्सिपल म्हणल्यार मिनीस्टर कशी मरे!"

"तशें म्हुण्णाका सायब. हें चेडवां इस्कोल म्हूण कोडोक राबच्या पोडटा. इंगा हे आदीं जायतीं कोफुसांवां जालोकोडे आहांय. केन्ना कोण पेरेंट म्हणोन भितोर सोरोत आनी हुंयच्याय चेडवाक झेवन वोसोत हें कोणाच्यान सांगो येता बाये? हे आदीं ओहें घोडलेकोडे आहा." उलयतां उलयतां किस्तोदीन शीलाचेर नदर मारली.

किस्तोदीन निमाणें वाक्य थांबयलें तेन्ना दुर्ग्यान आनी गजेंद्रान एकामेकांकडेन तोंड 'आं' करून पळयलें. दुर्ग्याच्या काळजांत भंयाचें ल्हानशें ल्हार उठून बसलें.

शीला किस्तोदीलें उलोवप शिंतिदान आयकतालें.

गजेंद्रान चिटोऱ्याचेर आपली म्हायती बरोवन दिली. किस्तोद प्रिन्सिपली म्हच्यांत वचून आयलो आनी तिगांकूय मानान घेवन

प्रिन्सिपलीच्या केबिनांत घेवन गेलो.

"सोरी मिस्टर नायक. तुमहां चोड वोगोत भायर उबीं रावचें पडलें."

"घडलें तें आमचे चुकीक लागून. हे घडणुकेन आमकां आनी आमच्या भुरग्याकूय एक बरें लिसांव मेळ्ळें."

समजिकायेच्या लोकांचें उलोवप आनी वागप अशेंच आसता.

खरें म्हणल्यार गजेंद्राक सुर्वेक खूब राग आयिल्लो स्कुलाच्या मुखेल्याचो. अशे तरेन गेटी भायर तिशटवपाचो पयलोच प्रसंग आयिल्लो ताचेर. कसलेच बाबतींत आपलो अपमान जावंचो असो तो कोणाकडेन वागऽ नासलो. दुडवांचे गिरेस्तकाये परस ताची मनाची गिरेस्तकाय व्हड आसली. ताका लागून मडगांव सारक्या शारांत खूब मान आसलो ताका. ताका वळखुपी, ताका पळयना फुडें ताका येवकार दिवपाक चलून फुडें येताले. इस्कोला कडच्यान ताची तशी अपेक्षा नासली. मात स्कूल पालकांक किंकोत करता अशी समजिकाय करून घेतिल्ली ताणें.

किस्तोदीन जर ताका खरी गजाल सांगूं नासली, तर तो रागा भारार केबिनांत वचून प्रिन्सिपलीक जाप विचारतालो आसलो. मात ती ताची व्हड चूक थारतली आसली.

स्कुलाची प्रिन्सिपल खूब बरी आसली. तिणें गजेंद्राक व्हडा मानान उठ-बस केलो. तो एक व्हडलो मनीस म्हूण न्हय, तर एक सर्वसामान्य पालक म्हूण! इस्कोलाचे प्रिन्सिपलीक सगळे पालक सारकेच आसले. ह्या इस्कोलांत चडशे गिरेस्त आनी सुशिक्षीतूच आपल्या चलयांक घालताले. ताका लागून हांगा भेदभावाक सुवात नासली.

तिणें आता शीलाक आपल्या केबिनांत बसोवन घेतलें. ती उठली आनी स्वता घोव-बायलेक गेटी मेरेन पावोवंक गेली.

"आमी बेटोच गैर समज करून घेतलो. तीं कायद्यांचीं आनी शिस्तींचीं गुलाम आसतात." प्रिन्सिपलीचे वागणुकेन दुर्ग्याक चुकीची जाणविकाय करून दिली.

तिणें आता शीलाक मायेन वेंगेंत घेतलें. ताच्या हाताक धरून ती पांचवी 'ए'च्या वर्गांत गेली. बांकावेली सुवात ताची वाट पळयताली.

आंगणांत देवाच्या नांवान वो भंयान वग्गी आशिल्लीं भुरगीं आतां क्लासांत बोवाळ घालतालीं. क्लासटिचर तांकां क्लासींत सोडून स्टाफ रूमांत गेल्ली. ताका लागून भुरग्यांक गोंदळ घालूंक रान मेकळें जाल्लें.

प्रिन्सिपल शीलाक घेवन क्लासींत गेली.

"गुडमॉर्निंग मादऽऽर" भुरगीं मोठ्यान आड्डेलीं. "गुडमॉर्निंग. सीट डावन चिल्ड्रन." प्रिन्सिपलीन भुरग्यांक म्होवाळ उतरांनी आनी शांत सुरान आदेश दिलो. शीलाक ताची सुवात दाखोवन ती संथ पावलांनी आपल्या केबिना दिकेन गेली.

हेडमिस्ट्रेस जावं नातर कोणूय टिचर जावं, तीं क्लासींतल्यान भायर सरल्या उपरांत क्लासींत गडबड आनी बोवाळ जाताच. पूण आतां प्रिन्सिपल भायर सरून गेल्या उपरांत शांतकाय मातय भंगली ना. ताका कारण आसलें शीला. शीलाचें व्यक्तीमत्व इतलें प्रभावी आसलें, की ताच्या चेऱ्यावेल्या तेजान क्लासांतलें एकान एक भुरगें दिपकून वचचें.

तशें पळोवंक गेल्यार, गिरेस्तकायेन शीलाचे तोडीचीं भुरगीं क्लासींत उणीं नासलीं. तरी सुंदरकायेन आनी हुशारकायेन शीलाच एकटें सगळ्यांक फाटीं उडयतालें ते क्लासींत. दुसरें कारण हें की शीला उसरां आयिल्लें. अशें आसुनूय प्रिन्सिपल ताका आपुलकेन क्लासींत घेवन आयिल्ली. हेर भुरग्यांचे बाबतींत अशें केन्ना घडना.

शीलाची बसपाची सुवातूय सगळ्यांत फुडल्या बांकार आनी टिचरीच्या मेजाक लागीं आसली. ह्या सगळ्या कारणांक लागून भुरग्यांक दिसलें, एक तर शीला प्रिन्सिपलीचें सोयरें आसूंक जाय, ना तर खंयच्याय मंत्र्या-बिंत्र्याली धूव!

शेकीं भुरगीं तीं भुरगींच. केदो वेळ वोगी रावतलीं? एकेकट्यान तोंड उकतें करपाक सुरवात केली. खिणांत तो वर्ग कावळ्यांची शाळा जाली.

स्टाफ रूमांत टिचरांची मिटींग चलताली. एक पांचवेचो वर्ग सोडून हेर वर्गांनी भुरग्यांक वगी करपाक मॉनीटरांच्यो धपकावण्यो आनी आड्ड्यो चलताल्यो.

पांचवेच्या वर्गांत मॉनीटर नाशिल्ल्यान तो निर्नायकी जाल्लो.

चडशीं भुरगीं एकमेकाक वळखतालीं. शीला मराठी शाळेंतल्यान आयिल्ल्यान तें एकटें पडिल्लें. ताका आता कांतीची याद जाली. कांतीन माद्रीले शाळेंत नांव घालां ही गजाल दुर्ग्यान शीलाक सांगिल्ली. क्लास पन्नास-पंचावन्न चलयांचो. आनी शीला फुडल्या बांकार. ताका लागून शीलाक कांती खंयच दिसलें ना. शीलान उबें रावन फाटल्या भुरग्यांचेर नदर मारली. पळय जाल्यार कांती एकदम फाटल्या बांकाचेर बसून आसा. शीलाक पळोवन कांतीक खोशी जाली. दोगीय इश्टीणी आतां इंटरवलची वाट पळयत रावल्यो. क्लासींत टिचर नासल्यार लेगीत सुवात सोडपाची ना, असो कायदो आसलो त्या स्कुलाचो.

टिचरांची मिटींग केन्ना सोंपत हाचो नेम नासलो. दनपारचीं बारा मेरेन चलत जाल्यार दोन-तीन वरां तरी बॅगांतलीं पुस्तकां भायर काडिनासतना बांक तापोवपाची पाळी आशिल्ली शीलाचेर.

शीलाचे हात पांय आनी तोंड-कानूय आतां काम करी नासले. मन मात फुलपाख्यावरी, बिरमुटेवरी भोंवत आसलें हांगा-थंय. तो वेळच असो आसलो कीं शीलाचें मन वर्गांत रमपाची इल्लीय शक्यताय नासली. प्रायमरी इंग्लिश माध्यमांतल्यान आयिल्लीं भुरगीं आपसांत इंग्लीशींतल्यान उलयतालीं. मराठी सोडाच, कोंकणी उलोवप हें तीं पाप समजतालीं.

शीलाक इंग्लीश साप्प येनासली अशांतली गजाल न्हय. पांचवेंत वतकूच आपलीं भुरगीं इंग्लीशींत फाटीं उरचीं न्हय म्हूण राणू गुरूजीन फाव तितलो अभ्यास करून घेतिल्लो. शीलाक इंग्लीश वाचूंक-बरोवंक बरी येताली. क्लासींत भुरगीं उलयतात तेंय खूबशें समजतालें ताका. पूण उलोवपाचें धाडस जाय नासलें.

शीलाचो हे नवे क्लासींत आता घुस्मटमार जातालो. तो सोसूंक नज जाल्ल्यान, ताचें मन ताका आदले मराठी शाळेंत घेवन गेलें. शीला वांगडा चार वर्सां शिकिल्लीं भुरगीं थंय आतां नाशिल्लीं. मात राणू गुरूजी आनी ताचे वांगडी आसले. शीलाक थंय सगळे शिक्षक दिसताले. नवीं आनी पोरणीं भुरगीं दिसतालीं. पूण थंयच्या कोणाकूच शीला दिसनासलें. शीलाक दिसतालें, धांवून वचून राणू गुरूजीच्या पांयांक स्पर्श करचो. पूण इत्सा आसूनय ताका शक्य नासलें. कारण ताचें मन एकेकडेन तर कूड दुसरेकडेन!

अशें आसलें तरी शीलाचें मन बिरमुटी जावन शाळे भोंवतणी भिरभिरूंक लागलें. सगळ्यांत पयलीं पयस रावन ताणें शिक्षक आनी भुरग्यांक दोळे भरून पळोवन घेतलीं. तांच्या तोंडांतल्यान म्होवाळ मराठी भास व्हांवताली. भुरग्यांचो भेस पुरायेन देशी नासलो तरी तो ह्या देशांतल्या भुरग्यांक सोब सारको आसलो. तातुंतलें ह्या देशाचें खाशेलेंपण लिपून उरनासलें.

शीलान चार वर्सां हे मराठी शाळेंत घालयलीं. पूण ह्या भेसांतल्या वेगळेचाराचेर ताणें विचार केन्नाच केलो ना. आतां कोन्वेंटांत पावल दवरलें आनी हो वेगळोचार ताच्या दोळ्यांत भरलो. आपल्या मनशांनी, आपल्या भुरग्यां खातीर काडिल्ली शाळा आसली ती. तातुंतलें एकान एक भुरगें, एकान एक शिक्षक भारतीय मनाचो आसलो. ह्या भारतीय मनाच्या शिक्षकांनी, शाळेचें वातावरण ह्या देशाचे मातयेंतल्यान किल्लून आयिल्ल्या भुरग्यांक पोशक थारता, अशें आसलें. हे मातयेचे, हांगासरल्या उदक-वाऱ्याचे आनी झाडां-पेडांचे संस्कार हांगाच्या भुरग्यांचेर घडचे अशी मांडावळ राणू गुरूजीन आनी ताच्या वांगड्यांनी करून दवरिल्ली.

पयलेचो वर्ग सुरू जाल्लो, तेन्ना राणू गुरूजीन श्रीकृष्णाचें एक चित्र फास्केंत घालून वण्टीर बसयल्लें. तकलेचेर मोरा पीस खोयिल्लो तो बालकृष्ण एके तळये देगेवयल्या, पांचव्याचार पानानी भरिल्ल्या रूखार बसून बांसरी वाजयता असो देखावो आसलो त्या चित्रांत. पळोवंक हें

चित्र सादें आसलें. पूण चित्रकारान पुराय भारतीय संस्कृताय उबी केल्ली त्या चित्रांत.

मोर हो थय-थय नाचपी नृत्य कलाकार. नृत्यकलेचें प्रतीक म्हूण कृष्णान मोरा पीस आपले तकलेर खोयिल्लें. हे मातयेंतल्यान किल्लून वयर आयिल्ल्या, कोंड्या नळयेंतल्यान भायर पडिल्ले कर्णमधूर सूर आदीं कोणे काडले काय? बालकृष्णान, काय कोगळीन? कोणेय काडूं ते मागीर. ते आयकून खरेल्या भारतीयांचें काळीज खोशेन भरता. ह्या सुरांनी संस्कारीत जाल्लें मन, धर्तरेच्या खंयच्याय कोनशाक आसलें, तरी तें ते सूर आयकून खोशेता.

राणू गुरूजीन पयली सावन चवथी मेरेन भुरग्यांक, साधु-संत, देव-देवता, शूर-वीर हांच्यो भरपूर काणयों सांगिल्ल्योच, मात ताणें चड भर दिली ती श्रीकृष्ण चरित्राचेर. श्रीकृष्ण जल्मापसून ते महाभारतांतल्या दुश्टांक दिल्ल्या ख्यास्तीच्यो काणयो सांगून राणू गुरूजीन भुरग्यांचेर बरे संस्कार घडोवन हाडिल्ले.

शीला आनी ताच्या वांगडा शिकिल्लीं भुरगीं मराठी शाळेंत वचूंक नासलीं, तर तांकां भारतीय संस्कृतायेची वळख आनी जाणविकाय मातय जावची नासली. ताका लागून गजेंद्रान फुडाकार घेवन मराठी प्राथमिक शाळा काडून व्हड राष्ट्रीय कार्य तर केल्लेंच, ते भायर शीला मराठी शिकिल्ल्यान ताच्या घराब्याची सांस्कृतीक परंपरा फुडें चालू उरिल्ली.

दोन म्हयन्यां उपरांत शीलाक आयज आपले शाळेची याद जाल्ली. आयज नव्या स्कुलांत टिचरींची मिटींग नासली तर शीलाचें मन त्या नव्या वातावरणांत कंटाळून वतलें आशिल्लें. ताची इश्टीण, कांती ताच्या म्हऱ्यांत बशिल्लें जाल्यार मात ताचें मन रमतलें आसलें त्याय वातावरणांत. ह्या सुमार पन्नास मनांच्या वर्गांत शीला आनी कांतीचीं हीं दोन मनां पक्कीं आसलीं. हेर सगळीं हुतहुतीं, उचंबळ आनी कसलीच दिका नाशिल्लीं.

शीला एक सर्वसामान्य आनी अविचारी भुरगें आशिल्लें तर तें ह्या

आपल्या नव्या वर्गांतल्या उडट्या पाखरांभशेन आपुणूय स्वैर उडूंक लागतलें आसलें. हेर सगळीं भुरगीं ताका मदें घालून आपली नायिका मानतलीं आसलीं. पूण शीलाक दोन मिनटांत तांची वळख पटली. ताणें पारखिलें, आपणे कितलेय येत्न केले तरी आपली नाळ ह्या भुरग्यांचे नाळीक जोडूंक जावंची ना. हें सगळें अणभवतालें धायेक वर्सांचे शीला. म्हणुनूच तें हेरांपरस वेगळें आसलें, अशें म्हणचें पडटा.

शीलाक ह्या स्कुलांत फुडें खूब कितें शिकपाचें आसलें. पळोवपाचें आसलें. मागीर आतांच पयल्याच दिसा शीला ह्या स्कुलाचेर विटपाक कारण कितें जाल्लें?

कारण एकदम सोंपें आसलें. एके शाळेंत घेतिल्ले संस्कार गांठीक बांदून तें नव्या स्कुलांत गेल्लें. ते सुसंस्कार आसले. नव्या स्कुलांत घडपी ते निकटे 'संस्कार' आसले ते बरे काय वायट, काळान थारांवचेले. मात शीलान देशी भाशेंतल्यान घेतिल्ले सुसंस्कार हे शास्वत आसले. आपल्या मनशांनी, आपले भाशेंतल्यान, माये-मोगान, भुरग्यांचें वय लक्षांत घेवन घडयल्ले. निमणे मेरेन मनाक चिकटून उरपी!

दरवंट्या भायर रावन शीलान स्कुला आंगणांतली सभा पळयल्ली. त्यो माद्री, त्यो टिचरी, तीं भुरगीं आनी ताणीं निर्मिल्लें तें वातावरण. तांचें देवासांव, तांची शीस्त आनी शांतकाय पळोवन शीलाक दिसतालें की, आपल्या आवय-बापायन ताका एका बऱ्या स्कुलांत घालां.

पूण तो ताचो भ्रम आसलो. क्लासींत वचून बसनाफुडें ताचो तो भ्रम निवळ्ळो. शीलाक भुरग्यांली इंग्लीश कळनासली. अर्द्यां वयर भुरगीं कोंकणीच उलयतालीं. आनी कोंकणी पूण कसली? बुरशी आनी घाणयारी. भुरगीं ती सहज उलयतालीं. पूण राणू गुरूजीचे मराठी प्राथमिक शाळेंत शिकून आयिल्ल्या शीलाच्यान ती आयकूं नज आसली.

माद्रींल्या स्कुलांतल्या टिचरींचें तोंड शीलान अजून पळोवंक नासलें. पूण पांचवेंतल्या वर्गांतलीं भुरगीं, माद्रींल्याच इंग्लीश प्रायमरींतल्यान आयिल्लीं. प्रायमरी स्कुलांतल्या टिचरींनी भुरग्यांचेर

कसले संस्कार घडयल्यात, आनी त्यो टिचरी कसल्यो आसतल्यो, हें शीलाक कळून आयिल्लें.

तशें पळोवंक गेल्यार माद्रींची आनी टिचरींचीच चूक आसा, अशें म्हणप चुकीचें थारूंये. ज्या समाजांतल्यान हीं भुरगीं येतात, त्या समाजाचो शेक शाळा चालकांचेर आसत जाल्यार कोणाच्यान कितें करूं येता?

पालकांचो शिक्षण संस्थांचेर आनी शिक्षकांचेर विश्वास आसूंक जाय. भुरग्यांचो गुरूजनांचेर, गुरूजनांचो आनी पालकांचो शाळाचालकांचेर विश्वास आसत जाल्यारूच शिक्षणीक कार्य बरें चलपाचें. सरकार जेन्ना दुडू खर्च करून शाळांचेर अधिकार गाजयता, तेन्ना शिक्षणतज्ञाक आनी शिक्षणाक कवडेचें मोल आसना. असलें शिक्षण राष्ट्रघातक थारता.

शीला वयान ल्हान आसलें तरी ताचें मन राणू गुरूजीचे सावळेंत व्हड जाल्लें. गुरूजीन दिल्ल्या शिक्षणान शीलाचे मतीक दिसान दीस धार चडटाली. पूण हांगा कितें जातलें? हीं भुरगीं तर कावळ्यांभशेन बोवाळ करतालीं. टिचरी स्कुलांत खंयतरी आसून लेगीत भुरग्यांक तांचो मातय भंय नासलो. हाचोच अर्थ असो की टिचरी वर्गांत नासल्यो तर शीला असल्या अभ्यासू भुरग्यांचें शिक्षण तितले पुरतें तरी उदकांत !

शीला जर राणू गुरूजीले शाळेंत शिकूंक नासलें, तर हे विचार ताचे तकलेंत येवचे नासले. सगळेकडेन हें अशेंच चलता अशें ताका दिसतलें आसलें. तेंय घडये हेरांभशेन 'स्मार्ट' जातलें आसलें!

राणू गुरूजीले शाळेंत भंयाक थारो नासलो. आपले शाळेंतलें एकान एक भुरगें धीट आसचें अशें गुरूजीक दिसतालें. मात धिटाये वांगडा शिस्त आनी नीतय आसूंक जाय अशें राणू गुरूजींचे मत्त. राणू गुरूजीलीं भुरगीं शिक्षकां मुखार इल्लो बोवाळ करूंक शकतालीं. मात वर्गांत शिक्षक नासलो जाल्यार मात वर्ग शांत आसतालो. सगळीं भुरगीं अभ्यासांत बुडून वतालीं. राणू गुरूजीन भुरग्यांमदीं भंय आनी शिस्त मारून–बडोवन

हाडूंक नासली. ती हाडिल्ली माये मोगान. हे भुंयेर जल्मल्ल्या व्हड मनशांचे दाखले दिवन, तांच्यो ल्हान ल्हान काणयो सांगून आपल्या भुरग्यांचेर सुसंस्कार घडयल्ले राणू गुरूजीन.

शीलान मराठी शाळेंत पांय दवरला तेन्ना वण्टीवेलीं चित्रां पळोवन तें अजापीत जाल्लें. कांय चित्रां ताणें हांगा थंय पळयल्लीं. पूण तांचें म्हत्व जाणोवन घेवचेंशें केन्नाच दिसलें ना. तें सदांच खेळांत दंग आशिल्ल्यान, जाणून घेवपाची ताका गरजूय पडली ना.

हांगा शीला शिकूंक आयिल्लें. तें घरच्यांचें अपुरबायेचें आशिल्ल्यान, घर खेळण्यांनी भरिल्लें. आनी शाळेच्यो सगळ्यो वण्टी चित्रांनी भरिल्ल्यो. भुरग्यांक चित्रां पळोवन तीं मनांत रिगोवचींच पडटालीं. दुसरो पर्यायूच नाशिल्लो तांच्या मुखार!

''भुरग्यांनो, ही तुमची शाळा. हांगा फकत शिकपाचें आसता. मस्ती करपाची नासता. मस्ती केल्यार वण्टीवेले देव तुमकां ख्यास्त भोगयतले.'' राणू गुरूजीन भुरग्यांचेर चेपण हाडलें.

राणू गुरूजीन 'वण्टीवेले देव' म्हणटांच सगळ्या भुरग्यांनी एकमेकांच्या तोंडाकडेन अजापान पळयलें. तांच्या घरांनी देवा कुडी आशिल्ल्यो. कुडी देवांनीं भरिल्ल्यो. ह्या देवांमदीं राम-कृष्ण हे देव भुरग्यांनी पळयल्ले. भुरग्यांच्या आवयांनी आनी आज्ज्यांनीय ह्या देवांच्यो काणयों सांगिल्ल्यो. पूण हे वण्टीवयले 'देव' कशे? ते राम-कृष्णा भशेन मुकुटधारी नासले. हे तर भुरग्यांल्या आज्या-पणज्यांभशेन दिसताले. भुरग्यांक तांचे विशीं म्हायतती घेवंचीशी दिसली. पूण तांची उमळशीक मनांतल्या मनांत उरली.

''भुरग्यांनो, आयज हांव तुमकां गीत शिकयतां. तुमी तें पाठ केल्या उपरांत, सद्दां देवा मुखार म्हणपाचें.'' अशें म्हणून राणू गुरूजीन स्वता 'शुभं करोति कल्याणम्' ही प्रार्थना म्हणपाक सुरवात केली.

भुरग्यां मुखार कितें मांडूंक जाय आनी कितें नाका, हें जातीवंत शिक्षकांक सांगपाची गरज नासता. आपल्या राष्ट्राचें हीत कित्यांत आसता,

ताची मुळावी मागणी कितें, हाची जाका जाणविकाय आसता, तोच खरो हाडा मांसाचो शिक्षक. राष्ट्र उभारणेच्या गुरूपदाक तोच लायक आसता.

ह्या राष्ट्राची संस्कृताय तिगोवन दवरपाची गरज राणू गुरूजीक खबर आसली. ताकाच लागून भारतीय संस्कृतायेक पोशक अशें वातावरण ताणें रचिल्लें.

पेल्याचो द्वेश आनी तिरस्कार करी नासतना आपल्याचो उदो उदो करप, आपलें बरें आसा तें उजवाडाक हाडून ताची राखण करप, ताचें लोकां मुखार प्रदर्शन घडोवन हाडप हातूंत वायट अशें कांयच आसना. तो जण एकल्याचो हक्क आसता.

सुर्वेक राणू गुरूजीन भुरग्यांक पाटी-पुस्तकां पसून पयसूच दवरलीं. तांकां उक्ते मळार मेकळीं सोडलीं. आपणें राखण्याचें सवंग घेतलें. जणेका भुरग्याचो सबाव जाणोवन घेतलो. भुरगीं गिरेस्तालीं आनी बऱ्या घराण्यांतलीं आसलीं म्हूण तीं सगळीं 'माणकां मोतयां' आसताच अशें नासता. तातूंत कांय सात्वीक, कांय तामसी, कांय खुनशी, कांय हौशी बी आसलीं. राणू गुरूजीन सगळ्यांच्या सबावगुणांचें निरिक्षण केलें आनी आपली फुडली येवजण तयार केली.

मुळाव्या अक्षरांक हात लायनासतना, तीन म्हयने मेरेन राणू गुरूजीन खेळ आनी काणयांचेर भर दिलो.

गुरूजी राम, कृष्ण, शंकर, गणपती, राजा-राणयांच्यो काणयो सांगतालो, पूण भुरग्यांक चड उमळशीक आसली ती अर्विल्ल्या देवांची म्हायती मेळोवपाची. कोण आशिल्ले हे अर्विल्ले देव? ते आसले बाबासाहेब आंबेडकार, ज्योतीबा फुले, शाहू महाराज. हे सगळे देव मुकूटधारी आनी भांगरांशिंगरां घालून आपल्या अर्दांगिनी वांगडा बशिल्ले नासले. भुरग्यांक नवे आशिल्ल्या देवांमदें कोण काश्टेकार आसलो, कोण मुंडासकार आसलो, कोण तोपयेकार आसो, कोण वालेकार आसलो, कोण पगडीधारी आसलो तर कोण माथ्यार उबी काळी तोपी

घाल्लो, दोळ्यांचेर वक्ल घाल्लो पुडवेकार आसलो.

भुरग्यांक ह्या नव्या देवांची इल्लीय म्हायती नासली. गुरूजीन ती दिवची अशें तांकां दिसतालें. जो मेरेन गुरूजीन तांकां म्हायती दिली ना तो मेरेन भुरग्यांनी कोणाक काश्टेकार गुरूजी, तोपयेकार काका, वालेकार, पगडेकार, पुडवेंकार अशीं नांवां दवरलीं. हे सगळे देव भुरग्यांक आपले कोणूय तरी लागतात अशें दिसूंक लागलें.

राणू गुरूजीन ह्या देवांची म्हायती भुरग्यांक केन्ना आनी कशी दिवची, हाची एक येवजण तयार केल्ली. ही येवजण चार वर्सांची आसली. पयली ते चवथी मेरेनच्या काळांत राणू गुरूजीन पुराण काळापसून आयज मेरेनच्या म्हापुरसांच्यो ल्हान-ल्हान काणयो आपल्या रसाळ उतरांनी भुरग्यांक सांगून तांच्या मनांत देशप्रेमाचीं बियां रूजयलीं.

शीलाचें मुळावें शिक्षण माद्रील्या स्कुलांत जाल्लें तर, ह्या तोपीधारी, पुडवेंकारांचें म्हत्व ताका केन्नाच कळचें नासलें. तोपी-मुंडाशा पोंदा कितें लिपलां हाची कल्पना ताका माद्रील्या स्कुलांत पावल्या उपरांत कळ्ळें. शीला मराठी चवथी पास जालें. खऱ्या अर्थान तें मनीस जालें. ताचेच पिरायेचीं भुरगीं माद्रील्या इस्कोलांत इंग्लीश शिकिल्लीं. तीं ब्रिटीश तर नाशिल्लींच, पूण भारता पसून खूब म्हणल्यार खूबूच पयस आशिल्लीं.

बारांच्या सुमाराक टिचरींची मिटींग सोंपिल्ली. एकेक टिचर भायर सरताली. कोणाच्या हातांत मिनी पर्स. कोणाच्या खांदाक मिनी बॅग. कोणाच्या हातांत रंगयाळी सत्री. कोणाच्या हातांत 'रोमान्सी'. वाचपाक न्हय तर फक्त आपूण वाचपी म्हूण दाखोवपाक.

सगळ्यो टिचरी स्टाफांत गेल्यो. आपापले सुवातेर उब्यो रावल्यो. कपलार छातयेर हात लावन आंजेलस करून बॅलीची वाट पळयत रावल्यो.

आयज नव्या शिक्षणीक वर्साचो पयलो दीस आशिल्ल्यान स्कूल बारांक सुटिल्लें. एरवीं तें देडाक सुट्टा.

कोंबड्यांचो घूड उकतो जाल्ल्यावरी, बॅली उपरांत वर्गांचीं दारां उकतीं जालीं. फरक इतकोच की घुडांत वग्गी पडून आशिल्ल्यो कोंबयो

भायर पडटकीर कॉक्-कॉक्-कॉक् करीत धांव मारतात. हांगा वर्गांत बोवाळ घालपी, कुंकाऱ्यो घालपी भुरगीं पुस्तकांचीं वजीं फाटीर घेवन, अडेचे शिस्तीन दरवंट्या मेरेन गेलीं. उपरांत तीं पाडकां-बोकड्यो जालीं.

शीला आनी कांती मात मनशां कशीं भायर सरलीं आनी तशींच घरा गेलीं. तीं माद्रील्या स्कुलांत पावलीं तरी तांच्या काळजांत अजून राणू गुरूजी रिगून आसलो.

:१६:

शीलालें नवें स्कूल सुरू जावन आठ-धा दीस पासार जाल्ले. नियमीत वर्ग अजून सुरू जावपाचे आसले. जुनाचे वीस तारखे पयलीं तरी ते सुरू जावपाची शक्यताय नासली.

हेडमिस्ट्रेशीलें वेळापत्रक जुलाय लागलो तरी तयार जावचें नासलें. बाजारांत चडशा क्लासीचीं पुस्तकां येवचीं आसलीं. ताका लागून वेळापत्रका प्रमाण शिकवण्यो जावपाची शक्यताय उणीच आसली.

टिचरी वर्सुकी येवजण्यो आनी हेर कामांत गुंतिल्ल्यो. ताका लागून क्लासी मॉनिटरांचेर सोपोवन त्यो आपापलीं कामां करूंक मेकळ्यो जाल्ल्यो.

नवे मॉनिटर अजून वेंचपाचे आसले. ताका लागून गेल्ल्या वर्साचो पांचवेचो मॉनिटर ह्या वर्सा सवेचें काम पळयतालो. पांचवेची जापसालदारकी शीलाचेर सोंपयल्ली. मराठी शाळेंत चवथेचो मॉनिटर शीलाच आशिल्लें. ताका लागून ताणें कां-कूं करी नासतना जापसालदारकी आपल्या आंगार घेतली.

क्लासांत भुरगीं खूब उलयतालीं. उलोवप कसलें, बडबडच ती! शीला मात गरजे पुरतेंच उलयतालें. उलोवप थोडें आनी आयकप चड आसलें ताचें.

क्लासांत हेरां इंग्लीश उलयतात तशी शीलाकडेन उलोवंक जाय नासली. आपूण इंग्लीश उलोवंक गेल्यार हेर भुरगीं हांसतलीं, अशें दिसून

तें सट्ट करून तोंड उगडूंक फाटीं सरतालें. नाय जाल्यार तें बडबडें नासलेंच. हेर भुरग्यांहून सगळेच बाबतींत वेगळें आसलें.

मुंयांमदें तांची एक राणी आसता. तिचो कारबार आनी शिस्त लक्षांत घेत जाल्यार ती हुशार आनी बळीश्ट आसूंक जाय. ती सुंदर आसता काय ना तें तिका मुंयांचे नदरेंतल्यानूच पळोवचें पडटलें.

शीलाय क्लासांतल्या भुरग्यांमदें तांची राणीच सोबतालें. रूप-रंगान, बुद्धीन आनी गुणानीय बी. अशें आसलें तरी ताका फाड-फाड इंग्लीश उलोवंक येनाशिल्ल्यान ताचें मन ताका सुस्त बसूंक दी नासलें. एक इंग्लीश उलोवप सोडलें जाल्यार, हेर सगळेच बाबतींत फुडें आसलें तें.

ताका मॉनिटरशीप मेळिल्ल्या कारणान ताका सुर्वेचे पंदरा दीस चडूच फायद्याक पडले. ह्या पंदरा दिसांक ताणें फक्त इंग्लीशींत एक्सपर्ट जावपाची आपल्या मुखार मोख दवरली. मनांत हाडल्यार हुशार आनी चिकाटीचीं भुरगीं कितेंय करून दाखोवंक शकतात. शीलानूय इंग्लीशीचे बाबतींत तशेंच करपाचें थारायलें. क्लासांतलीं सगळीं भुरगीं बडबडीं आसलींच. तांचे बडबडीचो शीलान लाव उठोवपाचो थारायलो. क्लासांतलीं कोण भुरगीं स्पश्ट इंग्लीश उलयतात हाचो ताणें नियाळ केलो आनी तांचीच इंग्लीश भास तें मन लावन आयकूंक लागलें. तें तशें करता हाचो पत्तो कोणाक लागूंक दिलो ना. 'प्रयत्ना अंती परमेश्वर', 'वाळूचे कण रगडीतां तेल गळे.' असलीं वाक्यां राणू गुरूजीन भुरग्यां कडसून अर्था सयत पाठ करून घेतिल्लीं. ह्या वाक्यांचो शीलान पुराय उपेग करून घेतलो. आपल्या वर्गांतल्या दोन-तीन हुशार भुरग्यांक ताणें पारखून घेतलीं. तांचे कडेन इश्टागत केली. तीं भुरगीं हुशार आसलींच, शिवाय समजीकायेचींय आसलीं. शीलान आपल्या इश्टिणींक सांगलें, कीं तीं उलयतात तशी इंग्लीश आपल्याकडेन उलोवंक जायना.

शीलाच्यो ह्यो नव्यो इश्टीणी वयान ल्हान आसल्यो. तरी तांकां खूब कितें समजतालें. एक नवी इश्टीण, आपल्याहून चड हुशार आसुनूय

ल्हानवीकायेन उलयता. क्लास मॉनिटर आसुनूय आपल्याक बरी इंग्लीश येना म्हणटा. ताणीं शीलाक मजत करपाचें थारायलें.

शीलाचे येत्न आनी इश्टीणींचो आदार. जून सोंपतां सोंपतां म्हणल्यार शीलान इंग्लीशींत खूबच प्रगती केली. इतली की तें इंग्लीश उलयता ती आयकून वर्गांतलीं हेर भुरगीं कान फांकारून, तोंड 'आं' करून शीलाच्या तोंडाकडेन पळेत रावूंक लागलीं.

शीलाचें पोजिसांव पळोवन हेडमिस्ट्रेसीन ताका तात्पुरतें क्लास मॉनिटर केल्लें. आता नवो मॉनिटर वेंचून काडपाचो वेळ आयिल्लो. शीला मराठी माध्यमांतल्यान शिकलां. ताची इंग्लीश वीक आसतली. कॉन्वेंट स्कुलांची इंग्लीश दर्जेदार. शीलाक ती जमचेली ना तेन्ना ताका वेंचणुकेंत वांटो घेवंक दिवप समा जावचें ना. क्लास टिचरीन पयलींच आपलें मत्त प्रिन्सीपलीक कळयलें.

जुलाय म्हयन्यांतलो पयलो शेनवार. मॉनिटरांच्यो वेंचणुको थारायल्ल्यो ते दिसां – पांचवी सोडून सगळ्या क्लासांतले मॉनिटर सोंपेपणान वेंचून काडले. शीलाल्या क्लासांतली वेंचणूक मात पाराद दवरिल्ली. ताका कारण आसलें शीला. प्रिन्सीपलीक जाय आसलें शीला मॉनिटर जाल्लें. त्या क्लासाची मॉनिटरशीप शीलाकूच फावता अशें प्रिन्सीपलीक दिसतालें. तरी शीला जर इंग्लीश उलोवंक आडखळटा, तर क्लासांतल्या भुरग्यांचेर ताचो फाव तसो प्रभाव पडचो ना अशेंय तिच्या मनांत येतालें. तरी ताका पारखुपाक कसली हरकत आसा? अशें म्हूण प्रिन्सिपल खासा वेंचणुके वगतार क्लासांत हाजीर रावली.

हे क्लासाची क्लास टिचर आसली मारयानी टिचर. ही टिचर आसली आंगान किडकिडीत. भुरगीं तिका भिवचीं सोडून तीच भुरग्यांक भियेताली. ते भायर ती इल्ली आसली आळशी. ते पासत तिका तिचीं सगळे तरेचीं कामां मुकाट्यान करता तसलें भुरगें मॉनिटर म्हूण जाय आसलें. 'येस् टिचर, येस् टिचर' म्हूण सांगता तें आयुकपी.

त्याच क्लासांत एक डेल्फीन म्हूण भुरगें शिकतालें. काजार जावना

म्हूण ताका भुरगें म्हणपाचें. ना जाल्यार बायलच ती. माद्रींल्याच प्रायमरी स्कुलांत आठ वर्सां शिकून तें हायस्कुलांत पांचवेंत 'ट्रान्सफर' जाल्लें.

डेल्फीनाचो पाय खारवी. नांव ताचें दुमिंग. ताचेकडे कितल्योशोच नुस्त्या बोटी आशिल्ल्यो. दुडू खोटांनी. आपले धुवेक ताणें दोतोर करपाक स्कुलाक घालां. धुवेक दोतोर करपाक तो कितलोय दुडू वारोवंक तयार आसा. दुडू आसल्यार कितेंय विकतें घेवंक जाता, अशें ताचें मत्त !

डेल्फीनाक 'मोत' आसा. पूण ताका ती शिकपाक उजार करची-शी दिसना. शिकपा परस खावन-जेवन घटमूट जाल्यार फायदो आसा, अशें ताका दिसतालें. ताका लागून तें दिस-रात चणे-भिकणां, उंडे-च्योरीसां बी खायत आसतालें. ताका लागून ताची कूड आनी कुडीची शक्त वाडत आशिल्ली. हे कुडीचो उपेग माररयानी टिचरीन करून घेवपाचें थारायलें. डेल्फीनान क्लासांत फकत दोळे मोटे करून पळेल्यार एकान एक भुरगें बिलू जातालें, हाची खात्री मारयानी टिचरीक आसली, पूण जालें मात वेगळेंच-

स्कूल बरें चलतलें जाल्यार, ताका नांव मेळोवन दिवपाचें जाल्यार, स्कुलाच्या मुखेल्याक सगळ्यांचेर बारकायेन नदर दवरची पडटा. शीला इस्कोलांत येत सावन प्रिन्सीपलीची ताचेर नदर आसली. ताचें थंडसाणीन थोडेंच उलोवप, शिस्तीन चलप, सभ्यतायेन न्हेसप, वेळ फुकट ना घालोवप, बेट्योच भुरग्यांच्यो कागाळी घेवन ऑफिसांत वचप ना. ह्यो सगळ्यो बारीक सारीक गजाली प्रिन्सीपलीच्या लक्षांत आसल्यो. ताका लागून क्लासटिचरीचे सांगणेन शीलाक पयस करप प्रिन्सीपलीच्या जिवार आयलें. ती शीलाक पारखुपा खातीर क्लासांत गेली.

टिचर मारयानीन शीलाक कुशीक दवरून डेल्फीनाक आदींच फुडें केल्लें. डेल्फीना हुजीर क्लासांतल्या सगळ्या भुरग्यांक टिचरीन डेल्फीनाकूच मॉनिटर वेंचून काडूंक सांगलें आनी भुरगींय 'येस टीचऽऽर' म्हूण मेकळीं जाल्लीं.

प्रिन्सिपलीन क्लासांत येवन उब्यानीच प्रस्न केलो.

''चिल्ड्रन, जाली तुमची तोयारी मॉनिटोर वेंचून काडपाची?''

''येस सिस्टर!'' भुरगीं आड्डेल्लीं.

''गुड! तुमी कोणाक वेंचून काडपाचें थारायलां?'' प्रिन्सीपलीन उत्सुकतायेन प्रस्न केलो.

''डेल्फीन सिस्टर !''

''व्हाय डेल्फीन? शीला बोरें न्होय?''

''बोरें सिस्टर.''

''मागीर शीलाक कित्याक वेंचून काडुना तुमी?''

''टिचर टोल्ड अस नॉट टू इलेक्ट हर.'' एका भुरग्यान उबें रावन जाप दिली.

''बट व्हाय?''

''टिचर म्हुंटा तें मोराठी शालेंतुल्यान येयलां. तेकोडे इंग्लीश सारकी उलोवंक जायना.''

''तुमची टिचर सारकें उलयता? शीला मोराठी शाडेंतल्यान आयलां ही गोजाल खोरी. पूण माहां पोडोवंक जाय, कोण बोरी इंग्लीश उलोयता पोडे ती.'' केन्ना-केन्नाय प्रिन्सीपल शीलाक आपल्या केबिनांत आपोवन घेताली. काम सांगूंक न्हय. पूण शीला तिका आवडटा म्हूण. हेर भुरगीं प्रिन्सीपली मुखार 'येस् शिस्टर नो शिस्टर' करतालीं खरीं पूण तांचीं उतरां उखलापीं आनी फोर्मालदादीचीं आसतालीं. तीं मान-रेस्पेदाचीं नासतालीं. कागदांच्या फुलावरी आसतालीं तीं तांचीं उतरां. कसलीच ओलसाण आनी गंध नाशिल्लीं!

मात शीला प्रिन्सीपलीकडेन सांबाळून आनी वेंचीक उतरांनी उलयतालें. मराठी शाळेंत आसतना राणू गुरूजी आनी थंयच्या हेर शिक्षकांकडेन जशें उलयतालें तशेंच तें प्रिन्सीपलीकडेन नमळ आनी गोड उतरांनी उलयतालें. ताणें खूब उलोवचें आनी आपणें आयकत रावचें अशें प्रिन्सीपलीक दिसतालें. असल्या भुरग्याक इंग्लीश येना म्हूण कोनशाक दवरप प्रिन्सीपलीक पटलेंना. आपल्या अधिकारांत ती शीलाक

मॉनिटर करूंक शकताली. पूण हुशार प्रिन्सीपलीन तशें केलें ना. तिणें शीलाक आनी डेल्फीनाक क्लासांत उबीं केलीं. तांच्या मुखार 'माय टिचर' हो विशय दवरलो आनी त्या विशयाचेर दोगांकय पांच-पांच मिनटां उलोवंक लायलें.

डेल्फीनान आपली क्लास टिचर, मारयानीचेर पयलीं उलोवप केलें. उपरांत शीला राणू गुरूजीचेर उलयलें. तें जें कितें उलयलें तें चिंतून उलयलें. ताच्या तोंडांतल्यान सादीं-सोपीं, अर्थाळ आनी मोगाळ उतरां थंडसाणेन भायर पडटालीं. तातुंतल्यान आपल्या गुरूजींचो मोग, माया आनी मनाचें दर्शन घडटालें. गुरूजी वांगडाच ताणें उबे केल्ले शाळेविशींची ओड-आवडय उतरां कणकणी व्यक्त जाताली.

डेल्फीनाच्या फाड फाड बडबडीहून शीलाचें उलोवप मोगाळ, रसाळ आनी अर्थाळ जाल्लें. भुरग्यांक तर तें आवडलेंच, टिचर मारयानीय तें आयकून चाट पडली. पूण आपल्याक आवडलें म्हूण मात तिणें दाखोवन दिलें ना.

प्रिन्सीपलीची वाट आतां मेकळी जाल्ली. तिणें भुरग्यांक प्रस्न केलो. ''तुमी दोंगायलीय उलोवपां आयकोलीं. जांकां शीला मॉनिटोर जाय तीं हात वोयर कोराय पोवया?'' तेच खिणांत सगळ्या भुरग्यांनी हात वयर काडले. डेल्फीनाचोय हात अचळय वयर सरलो.

प्रिन्सीपलीचें मन आतां खोशेलें, ती मदें पडूं नासली जाल्यार, एका कर्तुबी बऱ्या भुरग्याचेर अन्याय जातलो आसलो, तो आतां टळ्ळो.

प्रिन्सीपल भुरग्यांक कोंकणी उलोवंक दिनासली. पूण आपल्याक मात ती तो नेम लावन घे नासली. एक आवय आपल्या भुरग्यांकडेन परके भाशेन उलोवप पाप मानताली जावंये!

मनशाच्या जिवीतांत ओलसाणीक चड म्हत्व आसता. ही ओलसाण म्हणल्यार आपलेंपण. एकामेकांविशींची ओड. फकत रक्तासंबंद आसल्यारच ही ओड निर्माण जाता, अशें न्हय. तर कसलोच संबंद नाशिल्ल्या एकाद्र्या निश्ठूर मोनजात आनी मनशामदें लेगीत ती

आसूंक शकता. ही ओड म्हणल्यार देवाचें देणें. तें निर्मळ काळजाच्या मनशांकूच फाव जाता.

''बाय शीला, तूं मॉनिटर वेंचून आयलां. परबीं तुका.'' प्रिन्सीपलीन शीलाच्या केंसांचेर पयलीं हळू हात ओडलो. मागीर तोच हात तिणें ताचे खाडकेक लायलो. खाडकी वरशी केली. अशे तरेन की दोगांयच्योय नदरो एकामेकांक मेळच्यो.

''हांव वेंचून येवंना सिस्टर. तुवें वेंचून हाडलां म्हाका.''

''तुहां मानवोंक ना?''

''वडिलांनी दिल्लें कसलेंय काम आवडटा म्हाका. हांव तें मन लावन करतां.''

''गोमलां माहां.''

''तुका कशें कळ्ळें सिस्टर!''

''नोव्या भुरग्यांचेर आमची नोदोर आसता आनी तुजेर तोर म्होजी खासा नोदोर आहली.''

''खासा नदर, कित्याक सिस्टर?''

''कित्याक तर तूं वोर्तोता गुलाबाचें एक सोबीत फूल. निजगुणांनीं भोल्लेंलें. तुजो वास मोनशांक जागोयता. तुजो रोंग चोवप्यांक भुलोयता. तुजो आसपाव हेर फुलांक सोबोयता.''

सिस्टर प्रिन्सीपल शीलाची तोखणाय एक सारखी करीत रावली.

कांय मनशां अशीं आसतात की तांच्या संपर्कांत आयिल्ली वस्त-प्राणी तांकां आवडल्यार, तांची तोखणाय केल्या बगर तांच्यांनी रावं नज. तोखणाय करपी खूबशीं मनशां सदांच बऱ्या काळजाचीं आसतात. भायल्यान तीं दिसूं मागीर कशींय. पूण मनांत नितळ आसतात. जे सुवातेर नितळ मनशां आसतात, थंय देवाचें राज्य चलता. नितळ मनाचीं मनशां आपूण वता ते सुवातेर उजवाड, शांतकाय आनी खुशालकाय निर्माण करपाच्या प्रयत्नांत आसतात. सरभोंवतणी तांकां कितेंय वांकडें तिकडें दिसलें जाल्यार तांचीं मनां अथीर जातात. आड पडिल्ली बडी उबी

करूनूच तांकां फुडें वचनशें दिसता.

अशे तरेच्या मनशांमदली एक, ह्या स्कुलाची प्रिन्सीपल-सिस्टर प्रिस्का.

सिस्टर प्रिस्का ह्या स्कुलांत बदली जावन आयल्यार आठ वर्सां जाल्लीं. हे आदीं ती सोसायटीच्या स्कुलांत खंय तरी अशिस्टंट टिचर म्हूण काम करताली. तेय आदीं ती एका आश्रमांत मुखेल रांदपीण म्हूण काम करताली. एम.ए.,बी.एड्. आसुनूय तिका रांदपिणीचें काम करचें पडटालें. देवाच्या दरबारांत कसलेंच काम ल्हान-व्हड नासता. देवा मुखार सगळीं मनशां सारकीं, असो त्या आश्रमाचो नेम. आश्रमाची मुखेल सांगता तें काम वांगड्यांनीं तोंड धांपून करपाची रीत आसली त्या आश्रमाची.

मात ही रीत सिस्टर प्रिस्काक केन्नाच मानवली ना. आपूण हेर सिस्टरीं परस वेगळी आसां, अशें तिचें मन तिका सांगतालें. ताका लागून तिचें मन नितळ आसुनूय, चेरो उजळ आसुनूय मदीं-मदीं तिच्या चेऱ्यार काळसाण फांकताली. निर्मळ मळबार अकस्मात काळीं कुपां येवन धर्तरेर सांवट पडचें, ते भशेन सिस्टर प्रिस्काची नदर वायटाचेर पडली वो तिच्या कानार कसलींय वायट उतरां पडलीं तर तिच्या चेऱ्यार काळसाण फांकताली.

मनीसपणाची जाणविकाय आशिल्लो मनीस केन्नाच जात-धर्माचें कोंत करिना. तो ज्या धर्मांत आसता, त्या धर्माचे नेम ताका आपल्या मना आड मानचे पडटात. तेय समाजाच्या दोळ्यांक उदक लावपाक. तशें केलें ना जाल्यार समाज कावळ्यांचें रूप धारण करता. एकाद्रो कावळो ताच्या समाजा आड, ताच्या पंगडा आड गेलो जाल्यार, पंगडांतले कावळे ताचे फाटीक लागतात. ताका चोंचून-चोंचून अर्दमेलो करून सोडटात. खूबदां जीव सोडपाचीय पाळी ताचेर येता.

सिस्टर प्रिस्का आपल्या जिवीताचेर खूब मोग करताली. देवान आपल्याक जिवीत दिलां तें ईश्वराचो मोग करपाक आनी 'जनसेवा हीच

ईश्वरसेवा', अशें ती मानताली. पूण ईश्वरसेवेंत कसलीच खोड आसची न्हय, सत आनी नितळ मनान केल्ली सेवाच देव मानून घेता, अशें सिस्टर प्रिस्काचें मन तिका सांगतालें.

मात सिस्टर प्रिस्काच्या मना सारकें केन्नाच घडनासलें. जेजून दिल्ले शिकवणे प्रमाण मठांत कांयच घडना आनी घडोवन हाडटली जाल्यार फाव तसलीं मनशां भेटनांत. सिस्टर प्रिस्काचें हें व्हडलें दुख्ख आसलें.

सिस्टर प्रिस्काकडेन स्कुलाचे आनी थळाव्या मठाचे अमर्याद अधिकार आसले. मात हे अधिकार नेम-कायद्यानी घुस्पल्ले आसले. नेम कायद्याचेर बोट दवरून, ह्या संवसारांत खंयचोच अधिकारी देवाचें राज्य हाडूंक पावना. देवाचें राज्य हाडपाक काळजाच्या ओलसाणीची गरज आसता. ही ओलसाण ना मठांतल्या जोगिणी मदें दिसून येताली, ना स्कुलांतल्या टिचरीं मदें! काळजाचो उपेग करिनासतना... फकत कायद्याचेर बोट दवरून वावुरप्यां कडसून देवाच्या राज्याची अपेक्षा करप हीं सिस्टर प्रिस्काचे दिश्टीन पिशेपणां आसलीं.

सिस्टर प्रिस्का धर्मान क्रिस्तांव, ती जेजू क्रिस्ताचो खूब मोग करता. क्रिस्तान दाखोवन दिल्ली वाट तिका आवडटा. पूण ते वाटेन चलता आसतना अस्तंत संस्कृतायेचें वारें तिका आडकळ हाडटालें. त्या वाऱ्याची परतवण केल्या बगर, ह्या राज्यांत खऱ्या अर्थान स्वराज्य नंदचें ना, अशें तिका दिसतालें.

हांगाचो नकली भेस, अडेची भास, कृत्रीम हांसो, हें सगळें पळोवन सिस्टर प्रिस्काचो घुसमटमार जातालो. पूण ती कांयच करूंक शकनाशिल्ली. कोणाकडेन कांयच उलोवंक शकनाशिल्ली. कारण हें सगळें तिच्या समाजाक मान्य आसलें. तिच्या समाजान तो कायदो केल्लो. तो कायदो लिखीत नासलो. तरी अलिखीत आसलो. ह्या कायद्या आड वचप्यांक तांच्या समाजांत मान नासता.

सिस्टर प्रिस्काक समाजांतल्यो आनी तिच्या वांगड्यांच्यो खूबशो

गजाली मानवनासल्यो. पूण ती आपल्या समाजाक फाट करूंक शकनासली. तिच्या मुखार आनी दुसरो पर्याय नाशिल्ल्यान ती तशें करूंक शकनासली. मात कोणाची पर्वा करिनासतना आपल्या जिवितांत बदल घडोवन हाडचो अशें तिका दिसतालें.

मनशाचें वय जशें वाडत वता, तशें फाटलें जिवीत एक सुखदिणें चित्र जावन ताच्या मुखार उबें रावता. हें सुखदिणें चित्र हे खातीर म्हणचे पडटा की तें दुखदिणें आशिल्लें जाल्यार मनीस ताका आपल्या म्हऱ्यांत उबें रावंकच दिवचो नासलो.

हें चित्र म्हळ्यार मनशाचो पुराय भूतकाळ आसता. तो भूतकाळ मनशाचो गुरू जावन परत परत ताच्या सांगाताक येता. येता म्हणचे परस मनीसूच ताका मुजरत आपोवन हाडटा. एक-दोन दिसांमदें जर मनशाक ताचो सांगात मेळ्ळो ना तर सतर्क मनीस गोंदळटा आनी ताका कितेंय तरी चुकलें चुकलेंशें दिसता.

सिस्टर प्रिस्काचेंय अशेंच घडटालें. येदे व्हडल्या इस्कोलाचो व्याप सांबाळटना तिका नाका शेवट जातालो. पयलीं पयलीं तिणें रगताच्या फोर्सार देवाची सेवा व्हडा उमेदीन केली. पूण आतां तिचीं धा सोंपून पांच उरिल्लीं. तरी तिका आपणें देवाचे सेवेंतल्यान कितेंय तरी बरें करून दवरलां हाचें समाधान अजून मेळूंक नासलें.

मनीस जगता तो ताच्या उद्दिश्टा खातीर. तें उद्दिश्ट पुराय जातकूच ताका समाधान मेळटा.

सिस्टर प्रिस्काच्या मुखारूय कोणेंय तरी एक उद्दिश्ट दवरिल्लें. तें पुराय करपाक तिका अधिकारूय भरपूर दिल्ले. पूण तिका आपणें आपलें उद्दिश्ट पुराय केल्ल्याचें समाधान आयज मेरेन मेळूंक नाशिल्लें, हाची तिका खंत भोगताली.

तिचे देखरेखी खाला सातशें-आठशीं भुरगीं वावुरतालीं. पंचवीस-तीस टिचरी तिचें उतर झेलपाक एका पांयार तयार आशिल्ल्यो. सगळीं भुरगीं आनी टिचरी तिका मदर म्हणटाल्यो. मदर म्हणल्यार आवय. ही

फकत इस्कोलाच्या सातशें-आठशें भुरग्यांचीच आवय नासली तर संवसारांतल्या सगळ्या भुरग्यांची आवय आसली ती! खंयचेंय ल्हान-व्हड भुरगें तशेच ल्हान-व्हड मनीस तिका भेटल्यार, मदर म्हणून तकली बागयताले.

आवयचें कर्तव्य आसता, भुरग्याक बरी देख दिवन ताका आपल्या देशाचो बरो नागरीक करपाचें. सिस्टर प्रिस्काक आपल्या कर्तव्याची जाणविकाय आशिल्ली. तीच मोख दोळयां सामकार दवरून ती वावुरताली. पूण कोणूय तरी तिच्या वावरांत आडमेळें हाडटालोच. आडमेळें कोण हाडटा हें तिका कळटालें. पूण ती ताका पकडूंक शकनाशिल्ली. ताची कागाळ वरिश्टांकडे केल्यार तेय कांयच करूंक शकनाशिल्ले.

ऑक्टोबराचे २ तारखेर महात्मा गांधी जयंती आसता. सिस्टर प्रिस्काक ती तेच दिसा मनोवचीशी दिसताली. पूण टिचरी पयसुल्ल्यान येतात म्हूण तांचो तिचेर दबाव येतालो. त्यो म्हणटाल्यो, 'गांधी जयंती दोन तारखेक मनयली कितें आनी एक तारखेक मनयली कितें, फरक कितें पडपाचो आसा?' ताका लागून सिस्टर प्रिस्का दोन तारखेची गांधी जयंती एक तारखेच्या निमण्या पिरेडाक मनयताली. गांधीजीची म्हायती भुरग्यांक दिवपाक टिचरांक वेळ मेळना हाची खंत सिस्टर प्रिस्काक भोगताली. पूण कितें करतली बाबडी?

पंदरा ऑगस्ट देशाच्या स्वतंत्रतायेचो दीस. तो मनोवपाक हयगय जावची न्हय, कार्यावळ व्हडा दबाज्यान घडोवन हाडची असो सरकाराक सगळ्या इस्कोलांक आदेश काडचो पडटा.

सिस्टर प्रिस्काय आपल्या भुरग्यांक आनी टिचरींक आदेश काडून कळयताली की पंदरा ऑगस्टाक सगल्यांनी इस्कोलाक येवप 'कंपल्सरी', पूण पंदरा ऑगस्टाक फेस्त आशिल्ल्यान अर्दीं भुरगीं-आनी टिचरी गैरहाजीर. गैरहाजीर रावतल्याक 'पनीश' करपाची येवजण सिस्टर प्रिस्काची आसताली. पूण ही येवजण वर्सान वर्स शेळेता, हाची

जाणविकाय सगळ्यांक आसताली.

कार्यावळ सोंपतकच सगळीं भुरगीं आनी टिचरी भुरू भुरू करून आपापल्या घरा गेलीं. आनी सिस्टर प्रिस्का? सिस्टर प्रिस्का उसरां हुबयल्ल्या तिरंगी बावट्याक केदो वेळ पळयत रावली. बावटो कसलीच हालचाल करिनासतना, एका ऊंच पायपाच्या तेमकाक हुमकळटालो. थंय आतां बावट्याकय कोण नासलो आनी सिस्टरीकय बी!

तिरंगी बावट्याचें काल्पनीक चित्र एका खादी लुगटार काडून, ताका खिणाचो मान दिवपा खातीर सरकार आनी सिस्टरीन आदेश काडून आपयल्लीं भुरग्यांक आनी टिचरींक. तीं आयलीं आनी वर्सुकी भोगावळ करून गेलीं.

भोगावळ? हय भोगावळूच ती. जी कार्यावळ मोग नासतना-आवड नासतना, कोणूय तरी बळजबरीन घडोवन हाडटा, तिका भोगावळूच म्हणचें आसता.

सिस्टर प्रिस्काचे बाबतींतूय तशेंच म्हणनशें दिसता. वयलेतराक तिका मदर मानपाचें-आवय मानपाचें आनी खरेल्या अर्थान धव्याफुल्ल लुगटांत लिपयल्ले तिचे कुडीक 'मॅटर'! तशें नासलें जाल्यार तिचे आदेश बेकार आनी फुकट वचचे नासले.

पंदरा आगोस्ताक किरिस्तांवांचें फेस्त. तांकां आपल्या देसापरस देवासांव व्हड दिसतालें. दिसूं, देवाहून व्हड ह्या संवसारांत दुसरें कांय ना. अशें तांकां दिसता, दिसूं दी ! पूण हिन्दूंचें तर त्या दिसा कसलेंच फेस्त आसना! हिन्दू भुरग्यांनी आनी टिचरांनी त्या दिसा झाडून येवपाक कितें जाता? पूण तशें घडनाशिल्लें. कित्याक तर तांच्या मनांत कली शिरता आनी तांकां दिसता की कार्यावळीक आमीच कित्याक वच्चें? हो सण आमचोच? किरिस्तांवांचो न्हय? ताणीं जाय तेन्ना फेस्ता निमतान घरा रावचें?

टिचरांच्या मनांत जें शिजता, तेंच भुरग्यांच्या मनांतूय शिजतालें. कोणाच्या मनांत कितें शिजता हें न कळपा इतली सिस्टर प्रिस्का पिशी

नासली. राष्ट्रीय दीस आपूण बरे तरेन मनोवंक शकना, हाची तिका चड खंत भोगताली. आपलेकडेन सत्ता आसुनूय आपूण तिचो उपेग करूंक शकना हाचें तिका खूब वायट दिसतालें.

पंदरा ऑगस्टाक रेंदेरांगेर, खारव्यांगेर, शेतकारांगेर बी पातोळ्यो उकडटात. ह्या इस्कोलांत शिकपी भुरगीं रेंदरां-खारव्यांलींच चडशीं आशिल्लीं. गिरेस्तकायेचो वसो लागिल्ल्यान खेड्यांतल्यान आयिल्लीं गिरेस्त जालीं तरी सान्ना-पातोळ्यांची आवड इल्लीय उणी जावंक नाशिल्ली तांची. केन्ना घरा वतलीं आनी कोंफऱ्यांतल्या पातोळ्यांचेर ताव मारतलीं अशें जातालें तांकां. तेच पासत तीं हेर कित्याचोच विचार करिनासतना घरा दिकेन धांव मारतालीं.

सिस्टर प्रिस्का भुरगेपणांत, नन जावचे पयलीं अशीच आपल्या घरा धांव मारताली. आतांय तिका घरा धांव मारिनशी दिसली. पूण जेन्ना ती शिंतीदार आयली, तेन्ना तिका कळून आयलें, की आपलें तें भुरगेंपण आनी घर आतां इतिहासजमा जावन गेलां.

सदचे भशेन आयजूय पंदरा ऑगस्ट आशिल्लो. भुरगीं आनी टिचरींनीं तशीच धांव मारिल्ली घरा. सगळ्यांत फाटीं उरिल्ली ती सिस्टर -प्रिस्का!

तिचीं जड जाल्लीं पावलां आतां आश्रमा दिकेन मात्शीं मात्शीं सरकूंक लागलीं. तिचें शयनघर तिची वाट पळयतालें. आयज ती कसलेंच काम हातांत घेवची ना. कोणाक कसलोच आदेश दिवची ना. खंयचीच सिस्टर न्हय तर आश्रमांतली सेविका लेगीत येवन तिच्या शयनघराच्या दारार मारची ना. तसो आदेश तिणें सगळ्यांक दिवन दवरिल्लो.

सिस्टर प्रिस्कान आतां शयनघरांत प्रवेश केलो. तिणें भितरल्यान दाराक खिळी लावन घेतली. आपली मुस्तायकी देंवयली. माथ्यावेलो धवोफुल्ल टोप तिणें दोनूय हातांनी अचळय देंवयलो. तेन्ना टोपापोंदचे सुळसुळीत केंस सुटून सळ्ळ करून तिचे फाटीर फाटभर पसरले. त्याबराबर, सदांभशेन तिणें आपलें रूप हारशांत पळयलें.

आपलें रूप इतलें सुंदर आसुनूय आपूण तें सदांच लिपोवन भोंवतां हाचें तिका चड दुख्ख भोगतालें. देवान दिल्लें रूप देवाच्याच नांवान इबाडून आपूण आत्मघात करतां, अशें तिका दिसतालें.

पांयां मेरेन आशिल्लो दाट लुगटाचो धवोफुल्ल झगो तिणें आतां उतरयलो. आपली लज आपल्याकूच दिसची न्हय म्हूण, पातळशें आंगलें तिणें आंगार दवरलें आनी सुखदिण्या मोव-मोव पलंगाचेर स्वताक घालून घेतलें.

तिणें आतां दोनूय हात तकलेपोंदा घाले, दोनूय पांय मात्शे-शे फांकारले आनी दोळे मिटून घेतले.

सिस्टरीचो हो कॉन्वेंट अशे सुवातेर आसलो की एक फुडलो वाठार सोडलो जाल्यार, हेर तिनूय वाटांनी ल्हान व्हड झाडांपेडांची राजवट चलताली. फुडलो वाठार फुलांफळांनी भरिल्लो आनी त्याय भायर एक अशीर सो डांबरी रस्तो पासार जातालो. ह्या रस्त्यार फकत दुचाकी आनी धाकट्या गाडयांचेंच येवप-वचप जातालें. ताका लागून ना थंय गाडयांचो घरघर आसलो, ना लोकांचो बोवाळ!

सिस्टर प्रिस्का हातरूणार पडटकीर सट्ट करून न्हीद लागची अशी ती अपेक्षा करिनासली. रातीची हांतरूणार पडटकीर निदान एक वर तरी चितूंक जायच आसलें. दुसरें कसलेंच चिंतप ना जाल्यार आपल्या भुतकाळाचो चित्रपट ती आपल्या दोळ्यांमुखार उबो करताली. हो चित्रपट तिका जितलें सूख दितालो, तितलें सूख कल्पनेंतलो सर्ग दिवंक शकनासलो.

तशें पळोवंक गेल्यार, जल्माक आयिल्ल्या जणेका मनशाक आपलो स्वताचो असो इतिहास आसता. चडशा मनशांक ताचें कोंत आसना. पूण कांय मनशां अशीं आसतात, की तांकां आपूण कोण, आपूण खंयच्या कुळांत जल्माक आयलां, हें जाणोवन घेवपाची इत्सा आसता. सिस्टर प्रिस्काय तांतलीच एक!

सिस्टर प्रिस्का आयज एक व्हडलें अधिकारपद सांबाळून

आशिल्ली. कॉन्वेटांतल्या हेर सगळ्या सिस्टरींनी आपल्याक फाव तो मान दिवंचो, अशी तिची अपेक्षा. पूण तिका तो मेळनासलो. ताका लागून तिचें मन तिका रात-दीस शांतकायेन, उक्तेपणान वावरूंक दिनासलें. आपूण एक उच्चशिक्षीत, बऱ्या सोबावाची अस्तुरी आसुनूय, ह्या देवाच्या राज्यांतल्यो आपल्योच कांय भयणी आपल्याक वांकडे नदरेन पळेतात, हाची तिका खंत भोगताली.

सिस्टर प्रिस्का एका खारव्याली धूव. पुर्तुगेज तेंपार तिची शेमांय-जाकीन हांगा-थंय नुस्तें विकून आपलें आनी धुवेचें पोट भरताली. घोव रांपण फुटाणेकडेन वचून, नुस्तें मारून हाडून आपले घरकान्नीकडेन विकूंक दितालो. त्या बदलाक आपले बायलेकडच्यान आपल्याक वगतार शीत-कडी, धुमटी आनी कॉप मेळचें, अशी ताची अपेक्षा आसताली. तें मेळ्ळें ना जाल्यार ताच्यांतलो राकेस जागो जावन तिच्या आंगार धांवून वतालो. ताका लागून जाकीन आपल्या घोवाचेर नदर पडनाफुडें कच्च करून आंग काडटालें.

घोवा कडच्यान आपल्याक मार खावचो पडचो न्हय म्हण जाकीन ताका कितेंच उणें पडूंक दिनासलें. आपूण उपाशीं रावून लेगीत तें आपल्या घोवांतल्या राकेसाक थंड करतालें.

हें सगळें चालू आसतनाच ताच्या जिवितांत एक आकस्मीक घडणूक घडली.

जाकीन सदांच नुस्तें विकूंक दुसऱ्या गांवांत वतालें. आयज ताच्या सांगाताक कोणूच नासलो.

ते तेंपार आतां भशेन रस्ते लोकांनी गजबजलेले नासले. तांबड्या रस्त्यांच्या दोनूय कडांनी रूखावळ उबी आसताली.

आतांचे भशेन गाडयो धांवनासल्यो तेन्ना. केन्ना-केन्नाय बैलगाडे मात खटक-खटक असो आवाज करीत चलताले मार्गावेल्यान, आनी हां, मिलीटरीचे ट्रक मात मदीं-मदीं पासयो मारताले. मिलिटरीक गाडी शिकोवपाक कासवागतीन चलताले ते ट्रक.

आतां सकाळचीं आठ-साडे आठ जाल्लीं जावंये! दीस शियांचे आशिल्ल्यान धा पयलीं शीं हालनासलें. सगळो वाठार झाडांनीं भरिल्ल्यान सुर्याचीं किरणां धर्तरेर पडनासलीं. ताका लागून जाकीन माथ्यार नुस्त्या पाटलो घेवन कुडकुडत चलतालें.

इतल्यान ताणें फाटल्यान येवपी गाडयेचो आवाज आयकलो. गाडी शेर्त खापरी-पाकल्यांची आसूंक जाय. जाकीनाच्या काळजांत धडधडो भरलो. कितें करतलें? ताणें रस्त्याच्यो दोनूय देगो पळयल्यो. त्यो काट्या-खुट्यानी भरिल्ल्यो. पांकल्यांनी गाडी थांबोवन ताचेर घुरी घाली, तरी पळूंक वाट नाशिल्ली!

जाकीन आतां एका दवरण्याकडेन पाविल्लें. ताणें नुस्त्या पांटलो दवरण्यार दवरलो. फाटी-फुडें पळोवन कापडा कासाटो सोडलो.

कोणायभशेन माथ्यावेले केंस आनी आंबाडो दिसूंक फावना, म्हूण कापडाचो एक पदर आपले तकलेर सोडलो. उपरांत माथ्यार बुरखो आनी ताचे वयर पांटलो दवरून, भियेत-भियेत जाकीन लागलें चालीक.

जाकीनान आंग लिपोवपाचो यत्न केलो खरो, पूण ताका येश आयलें ना. पाकल्यांचो ट्रक म्हऱ्यांतल्यान पासार जालो. थोडो फुडें वतकूच, फुडें बशिल्ल्या पाकल्याच्या लक्षांत आयलें की रस्त्यावेल्यान ताकतिकेन चलपी एक तरणीताटी बायल मनीस आसा.

मुखेल पाकल्यान ड्रायव्हराक ट्रक थांबोवंक लायलो. फाटल्यान बशिल्ल्या पाकल्याक ताणें देवपाची ओर्द दिली. दोनूय पाकल्यांनी जाकीनाची गुटली पाटल्यासयत ट्रकांत घाली आनी ताणें बोब मारची न्हय म्हूण भंय घालून, ताका निर्जन सुवातेर घेवन गेले.

जाकीनालो नुस्त्या पाटलो जंगलांतल्या कोल्यांक ओपलो. ताच्या हाताक फोर्सान एक पेजाद नोट लायली. जाकीनाक परत हाडून, जे सुवातेवेल्यान ताका उबारून व्हेल्लें, ते सुवातेर हाडून सोडलें.

थोडेच तेंपान जाकीनान एका गोऱ्यापिट्ट बायेजीनाक जल्म दिलो. जाकीनालें बायेजीन आतां दिसान दीस गरगरीत वाडूंक लागलें. हेर

खारव्यांल्या भुरग्यां वांगडा तें दर्यादिगेर नाचूं-खेळूंक लागलें. तांबशा रंगा वांगडा पिंगशा केसांचें बायेजीन आतां इल्लें इल्लें लोकांचे नदरेंत भरूंक लागलें. तरी काळ्या-सावळ्या ल्हान-व्हडांक मात तें आपलेंशें केन्नाच दिसलें ना. फक्त एक जाकीन सोडून! आवयक आपलें भुरगें कसलेंय आसलें तरी तें बरें दिसताच.

दिसा फाटल्यान दीस उडून गेले आनी बायेजीन काजराचें जालें. धुवेच्या काजाराच्या चिंतनानी जाकीनाचेर आतां मोटो पेज आयिल्लो. हो पेज ताचेर आयज ना फाल्यां येतलोच हाची कल्पना ताका आदीं सावन आसली. ताका लागून दोन वर्सां आदीं सावन तें काजाराचे तयारेक लागिल्लें.

जाकीनान आपले तांकी प्रमाण काजराची तयारी केल्ली खरी, पूण न्हवरो मेळूंक नाका?

कोणाकय दिसतलें, जाकीन धर्मान किरिस्तांव आनी दर्यादिगेवेले हेर खारवीय दुसऱ्या धर्माचे न्हय. मागीर बायेजीनाक न्हवरो मेळपाक आडखळ कसली?

काळ्या-सावळ्या तरनाट्यांक गोऱ्यो-धव्यो व्हंकलो मानवतात, ही गजाल खरी आसली, तरी बायेजीनाची गोरसाण गोंयच्या सैमान निर्मूंक नासली. गोंयचें सैम बायेजीनाक आपलें मानूंक मातूय तयार नासलें. आनी गोंयच्या दर्या कुशीचे तरणाटे तर सैमाचे पूत. ते सैमाच्या आदेशाभायर वतलेच कशे? गांवच्या सगळ्या तरनाट्यांनी बायेजीनाक पाकलू नांव दवरिल्लें. पाकलू पाकल्यांलें. ताचेकडे काजार कोण जातलो?

एकाद्री व्हंकल गांवांतल्या सगळ्या तरनाट्यांक मानवलीना म्हूण कितें जालें? सगळे न्हवरे एकसारके आसतात व्हय? शेकीं गोरे कातीक एक न्हवरो भुल्लोच.

हो न्हवरो आसलो केरळकार, गांवांत ग्रील्स करपाची गॅरेज आसली ताची. दोन-तीन म्हयन्यानी केरळाक फावट मारून येतालोच. पळोवंक

तन्नो-धाकटो आनी उलोवंक बी हुशार आसलो.

एक दीस तो ग्रील्स घेवन जाकीनाल्या शेजराक आयलो. बायेजीन भायर उबें आसलें. झेतार न्हेसून आयिल्ल्या केरळकाराचेर ताची नदर पडली. केरळकारान बायेजीनाक दोळो मारलो आनी खिणाक दोगांचोय मोग जमलो.

बायेजीन आनी टोनी केरळकार आतां दर्यादेगेर पासयो मारूंक लागलीं. तांचो मोग घट जातासो दिसतांच जाकीनान कळाव करिनासतना, आपले धुवेचें काजार टोनी केरळकाराकडेन केलें, आनी एका वर्साभितर बायेजीन ऊर्फ पाकलून एका गुटगुटीत बेबीक जल्म दिलो. पाकलून ताका नांव दवरलें प्रिस्का.

तांबशा कातीच्या पाकलूचो संवसार, काळशा कातीच्या टोनीवांगडा फुलत गेलो. टोनीचो ग्रिल्सांचोय धंदो बरो चलतालो. ताका लागून पाकलू-प्रिस्का सुखान जियेतालीं टोनी वांगडा. टोनीय तांकां कितेंच उणें पडूंक दी नासलो.

ज्या गांवांत क्रिस्तावांचो आस्पाव व्हड संख्येन आसता, थंय चड करून माद्रींचो कॉन्वेंट आसताच. पाकलूल्या गांवांतूय एक ल्हानसो कॉन्वेंट आसलो. प्रिस्काक तीन वर्सां पुराय जातकच पाकलून ताका माद्रींच्या हातांत सोंपयलें. हातांत सोंपयलें म्हणल्यार 'दोतोनीक' घालें.

"टोनी, तूं तीन-तीन, चार-चार म्हयन्यांनी घारा केरळा-वोयता. आमकांय व्होर रे तुजे बाराबोन एकदां तोरी. बायेक दाखोवया आमी आमचें घोर. माहांय वोसोन वोसोनशें दिसता. सासूमांयक, देरांक, नोण्णांक केन्ना मेवतोलें हांव ! आमच्या काजाराक आतां चार वोर्सां जावन जेलीं मुरे ! एकूय हावट तुयें व्होरोना माहां." पाकलून आपल्या मनांतलें उलोवन दाखयलें.

पाकलून खूबदां केरळाक वचपाची आपली इत्सा उलोवन दाखयली. पूण टोनी आतां व्हरतां, मागीर व्हरतां म्हूण ताका फटयत रावलो.

टोनीचे खावपाचे आनी दाखोवपाचे दांत वेगळे आसले. पाकलूक हाची जाणवीकाय केन्ना-केन्नाय जाताली. आपल्याक टोनी एकदांय केरळाक व्हरपाक तयार जायना म्हूण तें दुबावतालें.

पाकलूक दुबावांत पडपाक कारण आसलें. गांवांत केरळाकारांचेर कोणूच केन्ना बरें उलयल्लो सांपडलोना पाकलूक. केरळकार चोरतात, फटयतात, नाडटात अशेंच पाकलूक लोकांकडच्यान आयकूंक येतालें. पूण पाकलूक टोनीचे खरेले दांत केन्नाच दिसलेना.

पाकलू आपल्या समाधानापासत दुसरोय विचार करतालें. ताका दिसतालें की संवसारांत चोर-फटींग फकत केरळांतच भरल्यात? गोंयांत आनी हेर राज्यांनी रावपी सगळेच साव? गोंयांतल्यो सगळ्यो कादयो केरळकारांनीच भरल्यात? तातूंत गोंयकार कोणूच नात?

नितळ मनाच्या पाकलूच्या मनांत बरेय विचार येताले. ताका दिसतालें, टोनी आपलो घोव. आपलें ताचेकडेन काजार जालां. ताणें एक भांगरासारकें भुरगेंय दिलां आपल्याक ! ताचेर दुबाव घेवप म्हणल्यार पाप. ह्या फुडें तरी आपल्या घोवाचेर दुबाव घेवन आपूण पातकाचें धनी जावंचें ना अशें ताणें थारायलें.

पूण टोनीची नीत पाकलूच्या सुखा आड आयली. टोनीचे खावपाचे दांत आतां उक्ताडार पडले. तें तशेंच घडपाचें आसलें. कारण टोनीन तशें करपाचें आदींच थारायल्लें.

टोनी गोंयांत जोडूंक आयिल्लो. ताका ह्या गोंयचो आनी गोंयकारांचो मातय मोग नासलो. तो मोग करतालो फकत हांगाच्या दुडवांचेर. दुडू कमावपा खातीर, सूख मेळोवपा खातीर ताका पावला कणकणी दोन रूपांचो उपेग करचो पडटालो. हीं दोन रूपां कोणाक केन्ना दाखोवपाचीं, हाची येवजण ताचेकडे तयार आसताली.

टोनीलें खरेलें रूप आनी खावपाचे दांत दाखोवपाचो वगत आतां लागीं आयिल्लो. विसेक वर्सां गोंयांत रावन पयसो एकठांय करून ताणें केरळांत पावयल्लो. आपल्या गांवांत आपली बायल-भुरगीं आसुनूय

हांगा पाकलूचो मोग करून काजार जावपाचें नाटक केल्लें ताणें. सगळीं सुखां भोगून जाल्या उपरांत, पाकलूक आनी प्रिस्काक वाऱ्यार उडोवन केरळाक पळ काडपाची येवजण पुराय करपाच्या कामाक लागिल्लो तो आतां.

खरें म्हळ्यार टोनीन कसलोच गाजोवाजो करिनासतना केरळाक पळ काडूंक जातालो. ताका केरळाक वचून परत हाडपाचें काम कोण करचो नासलो. पूण कोल्या बुद्दीचे लोक सदांच दुसऱ्याक गुन्यांवकारी थारावन आपलें काम सादोवन घेतात. टोनीय तसल्यांतलोच एक आसलो.

टोनी एक दीस सोरो पिवन तर्रर जावन आमोरेचेर घरा आयलो. हे आदीं तो पियेनासलो अशांतली गजाल न्हय. तो कुट्टी मारतालो पूण दुसऱ्याक आपलो त्रास जावंचो न्हय हाची चतराय घेतालो.

आयज घरांत भितर सरनाफुडें ताणें पाकलूक एक पेजाद गाळ संवली, मागीर ताणें ताच्या भेंडार एक रस्तीन खोंट घाली. मागीर तो हालत-धोलत, दोळे मोटे करून प्रिस्काक पळयत उबो रावलो. तो आतां प्रिस्काच्या केंसांक हात घालपाची माण्णी करतालो. आपले आवयचेर खोंट पडली ती पळोवन प्रिस्काची भिवन गुळी जाल्ली. तें आदींच थरथरतालें, आवयचेर पडल्या तशी खोंट आपल्याचेर पडची न्हय म्हूण, आदींच किळांच मारून ताणें भायर धांव मारली.

आपल्या घोवाचें भिरांकूळ रूप पळोवन पाकलूक कितें करचें कांयच समजना जालें. पयलेच खेप असलो जीवघेणो प्रसंग आयिल्लो पाकलूचेर.

प्रिस्का आपल्या चोपक्याक सापडलेंना तें पळोवन टोनी आतां चडच चवताळ्ळो. ताणें पाकलूचेर बुरशा गाळयांचो शिंवोर केलो.

पाकलूची मांय, जाकीन खारवीण खरी. पूण तिणें असल्यो बुरश्यो गाळी केन्नाच कोणाक संवल्योना. आपलो घोव केरळकार आसुनूय ताच्या तोंडांतल्यान, गोंयकारांक लेगीत लज्जेक घालपी गाळी भायर

पडटात त्यो आयकून पाकलू अजापीत जालें.

टोनीन कॉमेस केल्लो तियात्र म्हयनोभर चालू दवरलो. टोनीचो मारपेट पाकलूच्यान सोसूंक आनी प्रिस्काच्यान पळोवंक जायना जालो. तीं दोगांय कंटाळून शेजाऱ्यांगेर वचून न्हिदूंक लागलीं.

आपल्या केरळकार कुन्यांदालीं झगडीं-केस्तावां पळोवन गांवचे लोक टोनीचेर विटले. हें अशेंच चालू उरल्यार बऱ्याक पडचेंना हें आतां तांकां कळून आयिल्लें. ते एक दीस आमोरेच्या वेळार एकठांय जाले. सगळ्यांनी टोनीक धमकायलो. ताणीं ताका हेंय सांगलें की जर तो ह्या फुडें पाकलूचे वाटेक गेलो आनी वाड्यार सोरो पिवन बोवाळ केलो तर ते ताचे दोके मोडून घालतले.

टोनीय असल्याच धमक्यांची वाट पळयतालो. पाकलून आनी गांवकाऱ्यांनी आपलो तिरस्कार करचो, धमकावचो आनी गांव सोडून वचपाक आपल्याक तयार करचो.

एके राती, पाकलू आनी प्रिस्का शेजाऱ्यांगेर न्हिदिल्लेकडेन आसतना, टोनी कोंब्या सादार उठलो आनी घरांतलें कसलेंच सामानसुमान घेनासतना, कोण्णाक पत्तो लागनासतना घरांतल्यान भायर सरलो आनी फाटीं वळून पळयनासतना ताणें केरळाची वाट धरली.

ह्या प्रसंगाचो पाकलू परस चड परिणाम प्रिस्काचेर जालो. आपल्या बापायचो ताका खूब राग आयलो. बापायचोच न्हय, तर सगळ्या दादले जातीचोच तें आतां तिरस्कार करूंक लागिल्लें.

पाकलून आपल्या घोवाच्यो सगळ्यो करण्यो कॉन्वेंटाचे सिस्टरींक सांगल्यो. सिस्टरीनी चिंतलें. प्रिस्का एक हुशार भुरगें. पाकलू ताचो बरे तरेन सांबाळ करूंक शकचें ना. ताणीं ताका कॉन्वेंटांत दवरून माद्र करपाचें थारायलें.

प्रिस्का माद्र जालें खरें, पूण दादल्यांविशींची तिडक ताचे तकलेंत जल्मभर घर करून रावली.

ताका दिसतालें, संवसारांतले सगळे दादले आपल्या बापाय सारके

आसात काय ना, तें देवाक खबर. पूण खंयचोय दादलो मनीस भायल्यान कितलोय सादोभोळो दिसलो, गोड उतरांचो आसलो तरी तें ताका पातयेवंक तयार नासलें. कारण टोनीय सुर्वेक सांत कसो, सादोभोळो आनी मायेस्त दिसतालो. पूण ताणें आपले आवयचो विश्वासघात केलो, ही गजाल ताच्या मनाचेर खत जावन उरली.

आपल्या भुतकाळाचें चित्र नियाळटां-नियाळटां साडेबारा केन्ना जालीं, हाचें भान सिस्टर प्रिस्काक उरलें ना. जेवणाची बॅल जाली तेन्ना ती शिंतीदार आयली. तिणें आपले दुकांनीं भरिल्ले दोळे पुसले. माद्रीपणाचो धवोफुल्ल भेस आंगार चडयलो. तेन्ना तिका वण्टीवेले फास्केंत भरून दवरिल्ल्या जेजूची याद जाली. जेजू दादलो आसुनूय दादल्या-बायलांचेर सारकोच मोग करता हाची जाणविकाय सिस्टर प्रिस्काक जाली आनी एक बायलमनीस म्हूण जगपाचें बळ तिका जेजून दिलें.

:१७:

आठ-धांक इस्कोलाची इलॅक्ट्रीक बॅल वाजता आनी भुरूभुरू करून सगळीं भुरगीं धावून येवन असेंब्लीक उबीं रावतात. सव्वा आठांक असेंब्ली सुरू जावंकच जाय. दोन सेकेंदांचो फरक जालो जाल्यार लेगीत तो प्रिन्सिपलीक-सिस्टर प्रिस्काक जाणवतालो. मागीर एक-दोन पावट वॉर्नींग आनी उपरांत असेंब्ली भायर दवरप. आठवड्यांत कितले फावट भायर रावचें पडलें हाचोय हिशेब आसतालो प्रिन्सिपलीकडेन. लेट कमर, लेट इन असेंब्ली, असेंब्लींत बडबडप, फुतफुतप, धोंगशे मारप, चिमटे काडप, गरजे भायर हांसप ह्या सगळ्या क्रियांचेर बारीकसाणीन लक्ष आसतालें प्रिन्सिपलीचें. ह्या सगळ्या हालचालींचो नियाळ करून आठवड्याचें मेरीट लिस्ट तयार जातालें. ह्या मेरीट लिस्टांत सगळ्यांत टॉप आसतालें तें शीला! आपूण खंयचेच बाबतींत खाला पडचें न्हय, हाचोच विचार दीस आनी रात शीलाच्या मनांत घोळटालो.

कांय भुरग्यांकडेन अशे गूण आसतात, की तांचें अनुकरण जाणट्यांक लेगीत करचेंच पडटा. शीलामदें आशिल्ल्या ह्या अप्रतीम गुणाच्या आकर्शणाक लागून, शीला आनी सिस्टर प्रिस्काचें बेस बरें जमतालें. दिवे लावणेर उजवाडाच्या आकर्शणान पिसोळीं जशीं दिव्याचेर झोंपय घेतात, तेच परी सिस्टर प्रिस्का आनी शीलाच्यो नदरो एकमेकांचेर झोंपय घेताल्यो. हांगा दिवो कोण आनी पिसोळें कोण, हें सोदून काडपाचे भानगडींत मात कोणें पडचें न्हय. दिव्यत्व हें दोन वस्तुमदीं, दोन प्राण्यांमदीं आसलें आनी तें वेगळें वेगळें अशें भासलें तरी तें एकच आसता. तें म्हादेवामदीं आसलें कितें, विष्णूमदीं आसलें कितें आनी ब्रह्मदेवामदीं आसलें कितें, तातूंत वेगळेंपण आसूंच शकना. ताकाच लागून आमकां भारतीयांक शिकवण आसा, तुमी कितल्याय आनी खंयच्याय देवांक पांय पडात, तुमकां पावतलो तो एकूच देव !

खरें पळोवंक गेल्यार, आश्रमांत सिस्टर प्रिस्काच्या जात-धर्माच्यो कितल्योशोच नन्स आसल्यो. एका संस्कारांत वाडिल्ल्यो. एका धर्माच्या आदारान फुडें आयिल्ल्यो. तांचें खाण-जेवण एक. न्हेसण-पांगरूण एका सारकें. अशें आसतना इतलीं वर्सां एकेय सिस्टरीकडेन सिस्टर प्रिस्काचें पटलें ना. कोणाचीच फाव तशी ओड तिका लागली ना.

आश्रमाचें एक वेळ सोडून दिवया. चार बायलां एकठांय आयलीं म्हणटकीर, तीं मागीर कितलींय शिकिल्लीं आसूं-तांचेमदीं कुसमुसांव निर्माण जाले बगर रावना. मनांतलें कुसमुसांव भायल्यान कितलेंय लिपोवन दवरलें तरी तें अंतर्मनांत खंय ना खंय धुंवताच. पूण इस्कोलांतल्या भुरग्यांचें कितें? आयज मेरेन सिस्टर प्रिस्काक शीला सोडून एकय भुरगें आपलेंशें करूंक मेळ्ळेंना. सिस्टर प्रिस्काल्या इस्कोलांत व्हडल्या-व्हडल्या गिरेस्तांलीं-हिन्दू-किरिस्तांवांलीं भुरगीं अश्शीं आशिल्लीं. कांय देखणीं, कांय हुशार, कांय लागोळीं, कांय गंभीर, कांय उक्त्या मनाचीं. तरी एकय ओड लावणें भुरगें सिस्टर प्रिस्काक हो वेळ मेरेन मेळूंक नाशिल्लें. मात शीलाची आनी तिची जेन्ना भेट

जाली, तेन्ना सिस्टर प्रिस्काक आपलेंच कोणय तरी पयसावल्लें अकस्मात भेटिल्ल्याची जाणविकाय जाली.

ह्या संवसारांत दोन तरेचे कायदे चलतात. एक सैमीक आनी दुसरो भौसीक. भौसीक कायदो हो भौसान आपल्याक जाय तसो घडयल्लो आसता. ह्या कायद्याचो अर्थय भौसाचे वांगडी आपल्याक जाय तसो लायतात. आपूण सांगतां तेंच 'रजांव'. आपणें दिला तोच न्याय खरो आनी तो सगळ्यांनी मानूंक जाय, अशें म्हूण भौसाचे बळिश्ट वांगडी आपले हात वयर करून मेकळे जातात. हो न्याय मनशांनी आपल्या हिता खातीर घडयल्ल्या कायद्याच्या आदारान दिल्लो आसता. असल्या कायद्याक 'हम करे सो कायदा' अशें म्हणटात.

मनशांनी घडयल्लो कायदो पुराय मनीस जातीक पुराय न्याय केन्नाच दिवंक शकना. मनीस आपलो सुवार्थ दोळ्यां मुखार दवरून, आपल्याक जाय तो कायदो केन्नाय घडोवन, केन्नाय बदलुंकूय शकता.

मात सैमाचें तशें नासता. सैमाचो कायदो सगळे सृश्टी खातीर एकच आसता. कोणें कितलीय बोब मारली, कल्पनेंतलो आपल्याक जाय तसलो देव उबो करून ताच्या मुखार कितलेंय नाक घासलें, तरी सैमदेवतेमुखार कोणाचींच शाणेंपणां चलनांत.

विचारवंतांचो आयज वेळचो अणभव हेंच सांगता. सिस्टर प्रिस्का आनी शीलाची इश्टागत सैमाच्या कायद्यान घडोवन हाडिल्ली. ती इतली घट जाल्ली की, सिस्टर प्रिस्काक एक दीस शीला दिसलें ना जाल्यार ती अस्वस्त जाताली. शीलाकय सिस्टर प्रिस्का आपल्या घरांतल्या मनशां इतलीच आवडूंक लागिल्ली. एक दीस सिस्टर प्रिस्काची भेट जालीना जाल्यार शीलाचें मन सैरभैर जातालें.

ना नात्या-गोत्याचीं, ना जाती-पातीचीं, ना एक धर्माचीं दोन मनशां, एकठांय जावन तांचे मदली ओड आनी आकर्शण वाडीक लागता तें पळोवन कोणाकूय अजाप दिसपाचेंच. हेर खंयीं पावूं, तांचो दर्जो तरी एक आसूंक नाका आसलो? सिस्टर प्रिस्का आतां प्रिन्सिपल आसली

म्हूण कितें जाली? मुळची खारवीण हें सगळ्यांक खबर आसा. जेन्ना जेन्ना तिच्या हातांतल्यान कसली ना कसली चूक घडटा, तेन्ना आश्रमांतल्यो हेर सिस्टरी–असवडीं जावं मागीर–तिचें खारवीपण मुजरत वयर काडटाल्यो. सिस्टर प्रिस्काक हाची खबर आसली. तिचें मन दुखवतालें तरी ती, 'हे जिजस नेणारांक भोगसीय' म्हूण सगळें सोंसताली.

शीलाकय हें खबर आसलें. ताच्या वर्गांतलीं भुरगीं ल्हान आसुनूय रागान तीं सिस्टर प्रिस्काक खारवीण म्हणूंक मातय अनमननासलीं. शीलाक ही गजाल मातय आवडनासली. एक दीस तर एके हिन्दू टिचरीन शीलाक मुजरत सिस्टर प्रिस्काची वळख करून दिली. "पळे शीला, ते प्रिन्सिपलीकडेन चड सलगी करूं नाका आं! ती कोण ती जाणा मगो तूं? नकळ जाल्यार हांव सांगतां. बरे भशेन आयक खार–वीण ती खारवीण!"

"जाणां हांव मॅम!"

"कशें कळ्ळें गो तुका?"

"क्लासांतलीं भुरगीं उलयतात तें आयकलां हांवें."

"तरी तूं तिचे कडेन दाटी करता?"

"दाटी केल्यार कितें जालें मॅम? बरी ती! म्हाका खूब आवडटा."

"तशी ती कोणाक आवडना तर? म्हाकाय आवडटा. पूण शीला, तूं अजून ल्हान आसा बाय. संवसाराची रीत तुका खबर ना. कांय मनशांचीं उतरां म्होवाळ आसतात. तांच्या नितळ भेसाक पळोवनूय तुजे असलीं भुरगीं फसतात...."

"मॅम, तूं कोणाविशीं उलयता? आमी प्रिन्सिपलीविशीं उलयतालीं." टिचरीचें विशयांतर जाता तें पळोवन शीलान तिका जागयली.

"खबर आसा म्हाका. तूं म्हजे भशेन बऱ्या घराण्यांतलें भुरगें न्हय गो! म्हणून सांगतां." टिचरीन आपल्या घराण्याची तुळा शीलाच्या घराण्याकडेन केली.

"मॅम, तुमी म्हाका कितें सांगूंक सोदतात?" शीलान उबगून प्रस्न केलो.

"इतलेंच की, तूं एक उच्च कुळांतलें भुरगें हें लक्षांत दवर." आपलोय जल्म एका व्हडल्या कुळांत जाल्ल्या भशेन उलोवन टिचर मेकळी जाली.

"हांव एकटेंच उच्च कुळांतलें आनी हेर सगळीं भुरगीं हीन कुळांतलीं मॅम?"

"तें तुज्या आवय-बापायक विचार."

"विचारिल्लें हांवें म्हजे माँ क एकदां."

"माँ क? आवंय येद्या व्हडल्या कॉन्वेंट स्कुलांत शिकून सुद्धां तूं तुजे आवयक 'मम्मी-बिम्मी' म्हणपाचें सोडून माँ म्हणटा गोऽऽऽ ! माद्रील्या इस्कोलांत शिकता मगो तूं. हांवें म्हज्या स्वीटाक म्हाका मॉम म्हणूंक शिकयलां. बरें तें आसूं. तुजे माँ न तुका जाप दिली तें सांगलेंना तुवें."

"कसली?"

"कसली? आवंय रोकडेंच विसरता मुगो तू! हांव समजतालें तकलेन फिन आसा म्हूण तूं!"

"ना मॅम, हांव तुमचे इतलें हुशार ना."

"हांव जाणा गो तें. हांव कित्याविशीं उलयतालीं तें हांवूय विसरून गेलीं गो बाये."

"मॅम म्हाका याद आसा. उच्च-हीण कुळाविशीं उलयतालीं आमी."

"हऽय वय! तुवें तुजे मम्मीक कितें विचारलें म्हळें तुवें?"

"मम्मीक न्हय, माँ क."

"हय गो बाये तेंच तें!"

"हांवें म्हजे माँ क विचारलें, खारवीण म्हळ्यार कितें काय म्हूण. तेन्ना म्हजी माँ म्हजेर चाळवली."

''चाळवली? चाळवली शी!''

''तिका दिसलें, हांव कोणाची जात वयर काडटा म्हूण. खरें म्हळ्यार हांवें तिका 'खारवीण' ह्या उतराचो अर्थ विचारिल्लो. तिका दिसलें हांव कोणाची जात वयर काडटां!''

''मागीर माँ न कितें सांगलें.''

''आईन 'खारवीण' ह्या उतराचो खरो अर्थ सांगलो. तेन्ना म्हाका कळ्ळें, नुस्तें विकपी बायलेक 'खारवीण' म्हणटात म्हूण!'' हें आयकून टिचरीच्या कपलाक आटयो पडल्यो.

''तुवें माँ क 'खारवीण' उतराचो अर्थ कित्याक विचारलो?''

''म्हज्या क्लासांतलीं कांय भुरगीं प्रिन्सिपलीक रागान 'खारवीण' म्हणटात म्हूण.''

''आमची प्रिन्सिपल नुस्तें विकता तर गो?'' टिचरीन तोकासांवन प्रस्न केलो.

''ना मॅम. मागीर म्हाका कळ्ळें, भुरगीं तिची जात वयर काडटात म्हूण. माँ न सगळें विस्कटावन सांगलें म्हाका. जातीच्या नांवान कोणाक हिणयल्लें म्हजे आईक आनी बाबाकय साप्प मानवना मॅम! मराठी शाळेंतले गुरूजीय म्हजे माँ–बाबा सांगतात तशेंच सांगताले.

मॅम, म्हजे माँ पसून हांव कितेंच लिपोवन दवरिना. म्हजी आई खूब शाणी. म्हजो तिचेर पक्को विश्वास बसला. ताका लागून म्हज्या मनांत कसलोय दुबाव, उप्रासल्यार सगळ्यान पयलीं हांव तिचेकडेन वतां. म्हज्या मनांतले दुबाव, शंका हेर कोणाय परस तिका बऱ्यो समजतात. ताका लागून हांव पयलीं शाळेंत आनी उपरांत ह्या माद्रींल्या इस्कोलांत येत मेरेन, म्हज्या शिकपांत जें कितें आडखळल्या सारखें दिसता, टिचरांकडल्यान सारखें स्पश्टीकरण मेळना, तें स्पश्टीकरण म्हाका म्हजे माँ कडच्यान मेळटा.

मॅम, टिचर म्हूण हांव तुमकां मान दितां, प्रिन्सिपलीकय तिका फाव तो मान हांव दितां. पूण सगळ्यां परस चड मान हांव म्हजे माँ क

दितां. कारण तीच म्हजी खरेली प्रिन्सिपल-खरेली गुरू.

म्हजे माँ न म्हाका सांगून दवरलां, की इंग्लीश इस्कोल जालें तरी तें सरस्पतीचें मंदिर. ह्या मंदिरांत जो कोण वता, ताचें मन नितळ आसूंक जाय. थंय जातिभेदाक थारो आसूंक फावना. कोण गरीब, कोण गिरेस्त हें पळेनासतना. पवित्र मनान चडांत चड शिक्षण घेता तोच मनीस ह्या संवसारांत व्हड जावंक पावता. विद्ये परस व्हड ह्या संवसारांत आनी कांयच ना, अशें म्हजी माँ म्हाका सदांच सांगता.

आमचेमदीं आतां जें कितें उलवप जालां, तें माँ क सांगिनासतना रावतलें तर हांव?''

हें आयकनाफुडें टिचरीक कच्च जालें. ती शीलाक सादें -भोळें समजताली. स्वजातीचें आनी श्रीमंत आशिल्ल्यान, शीलाच्या घराब्याकडेन लागसारान वागून तांचेकडेन संबंद जोडपाचो येत्न चालीक लायल्लो टिचरीन. पूण आतां तिका कळून आयलें, भायल्यान सादें-भोळें आनी थंड दिसपी शीला भितरल्यान उजो आसा. आपली ताचे कडेन कशीच दाळ शिजपाची ना. हाचे कडेन सांबाळून रावपांतूच शाणेपण आसा. तिणें खिणांत पान-परतीलें. म्हणूंक लागली-

''बाय शीला, तूं तुजे माँ क म्हजे विशीं कांयच सांगूं नाका बाये. आमचें हें उलोवप वयल्या वयलें. तुजी माँ म्हणटा तें पट्टा म्हाका. व्हडल्या मनशांक जातपात कांयच लागना जाल्यार आमकां तरी खंय व्हरूंक जाय त्यो जाती? म्हणून म्हणटां, तो विशय आनी काडूं नाका तुज्या घराकडेन. काडचें ना मगो?'' टिचरीन शीलाच्या चेऱ्याचो थाव घेत प्रस्न केलो.

''ना मॅम, तुमकां आवडना जाल्यार काडिना.''

शीलान विशयाक थंयच पुर्णविराम दिलो. मात टिचर ताचे नदरेंतल्यान खालावली ती खालावलीच.

शीलान टिचरीचें तोंड बंद केलें खरें, पूण तिचे तकलेंतलो वळवळटो जातकिडो मारपाचें वखद ताचेकडे नासलें. शीला खंयच्याय

भुरग्याकडेन मेळून मिसळून वागता तें पळोवन टिचरीचे तकलेक सणसणो मारतालो. तिचें हरशीं लुकसाण कांयच जायनाशिल्लें. शीलाक ती मानारूय करूंक शकनाशिल्ली. तरी शीलाचें वर्तन पळोवन ती आपल्या तोंडार काळोख घालतालीच.

प्रत्येक म्हयन्याच्या पयल्या शुक्राराक इगर्जेंत मीस आसतालें. ख्रिश्चन भुरग्यांक मीस सक्तीचें. मात इस्कोल सरकारी अनुदानाचेर चलता देखून, वेवस्थापन हेर धर्माच्या भुरग्यांक मीस सक्तीचें करूंक शकनाशिल्लें. ताका लागून मीसाच्या वेळार हिन्दू आनी मुस्लीम भुरगीं आपापल्या वर्गांत बसून रावतालीं. इस्कोलांतल्यो हिन्दी-मराठी-कोंकणी टिचरी चडश्यो हिन्दूच आसताल्यो. हिन्दू भुरग्यांचेर दोळो दवरपाचें काम हिन्दू टिचरांचें आसतालें. असल्या वेळार टिचरांक स्टाफांत बसून चकाटां मारपाक आयतीच संद मेळटाली. भुरगीं आपापल्या वर्गांत धुमशणां कांडूंक मेकळीं!

शीलाक हें साप्प मानवनासलें. ताका दिसलें आपलें मोलादीक एक वर फुकट वता. वर्गांत बसून अभ्यास करप जमना. भुरगीं बोवाळ करतात. ह्या वेळार वाचनालयांत वचून पुस्तकां वाचपूय शक्य ना. ग्रंथपाल ग्रंथालयाक चावी करून मीसाक वता.

शीला मुखार आतां एकूच उपाय आसलो. आपले आवडीचें पुस्तक घेवन खंयच्याय रूखामुंदांत बसून वाचपाचो. पूण ताका कायदो आड येतालो. खंयचेय टिचरी कडसून परवानगी घेवन भायर वतलें म्हळ्यार परवानगी मेळपाची शक्यताय नासली.

शीलाच्या मनांत आतां एक विचार आयलो. स्कुलांत बसून भुरग्यांचो गोंदळ आनी टिचरांचो बोवाळ आयकचे परस आपणेंच सिस्टर प्रिस्का वांगडा मीसाक गेल्यार कितें वायट? चर्च कितें आनी देवूळ कितें! तातूंत वास करपी देव वेगळो तर आसूंक शकना! प्रार्थनेची तरा वेगळी आसत, आसूं!

ताणें आपलो बेत आपले आवयच्या कानार घालो. दुर्ग्यान ताका

कसलेंच आडमेळें हाडलें ना. उलट आवयन धुवेक सांगलें, ''बाय,तुवें एक वर फुकट घालोवचे परस तूं इगर्जेंत गेल्यार म्हाका मातूय वायट दिसचें ना. कांयच शिकनासतना इस्कोलांत बेकार बसून रावचे परस, इगर्जेंत वचपांत वायट कांयच ना गो बाय! रिकामे तकलेंत देंवचार भितर सरता. देंवचाराचो अर्थ हांव सैतान असो घेतां. एकदां मनशाचे तकलेर सैतान बसलो म्हणटकीर मनशाची वाट लागलीच म्हण समजुची. तें टाळपाचें जाल्यार मनशान आपलें मन अशे सुवातेर रिगोवंक जाय जंय शांती वास करता. देवाची उपासना करून शांती मेळोवपाची आसल्यार ती खंयचेय पवित्र सुवातेर वचून आमच्यानी मेळोवं येता. ताका राम-कृष्ण आनी शिवाचींच देवळां जाय अशें ना. आसल्यार बरींच. नासल्यार अडूंक फावना.''

एकाद्रो देवभक्त आपल्या देवाचो जसो प्रसाद घेता, तशी शीलान आपले आवय कडल्यान इगर्जेंत वचपाची मान्यताय घेतली. उपरांत तें मनांत कसलोच भंय बाळगिनासतना सिस्टर प्रिस्काकडेन धांवलें.

''मदर!''

''एस माय चायल्ड!'' सिस्टर प्रिस्कान शीलाच्या केंसांचेर हात भोंवडायत जाप दिली.

''फाल्यां शुक्रार!''

''व्होय-व्होय. म्होयन्याचो फर्स्ट फ्रायडे.''

''इगर्जेत मीस आसतलें न्हय?''

''व्होय. णोवांक स्टार्ट.''

''मीसाक म्हज्यान येवं येता मदर?''

सिस्टर प्रिस्का शीलाच्या तोंडाकडेन केदो वेळ पळयत रावली. शीला सोडून आनी कोणूय स्कुला भायलें भुरगें आशिल्लें जाल्यार सिस्टर रोखडीच 'यो' म्हणपाची. हांगा ती स्कुलाची प्रिन्सिपल आशिल्ल्यान ती चितूंक पडली. तिची शीलाकडेन ओड आसा, हें आख्खें स्कूल जाणां आसलें. शीला तिच्या वांगडा मीसाक गेल्यार स्कुलांतल्यो माद्री

हिन्दू भुरग्यांक फितोवन मीसाक व्हरतात, अशें कोणूय म्हणत म्हूण भंय!

"तुज्यान मीसाक येवं येता, बाय शीला. पूण ते आदीं तुहां तुज्या मम्मी-डॅडीचें परमिशन घेवचें पोडटोलें."

"तें घेतलां मदर हांवें."

"हांव तियेक फोन कोन्न इचात्तां."

सिस्टर प्रिस्कान रोखडोच दुर्ग्याक फोन करून, ताणें शीलाक खऱ्यानीच मीसाक वचपाची मान्यताय दिल्या काय कितें, हाची चवकशी केली. शीलाक मीसाक वचपाक आपली कसलीच आडकळ ना म्हणपाचें दुर्ग्यान सिस्टर प्रिन्सिपलीक सांगलें.

सिस्टर प्रिस्काच्या माथ्यावेलो पेज आतां पयसावलो. फाल्यां आपल्या वांगडा शीला मीसाक येतलें, ही जाणविकाय सिस्टर प्रिस्काच्या मनाक सूख दिवन गेली. शीला फाव तितलें ल्हान आसलें जाल्यार सिस्टर प्रिस्का ताका हाताक धरून इगर्जेंत व्हरपाची. तशें पळोवंक गेल्यार हाचे पयलीं कितल्याशाच भुरग्यांक तिणें हाताक धरून हांगा थंय व्हेल्यांत. पूण ती फकत फोर्मालदाद आसली. लोकांच्या दोळ्यांक उदक लावपाक. आपल्याक भुरग्यांचो मोग आसा हें दाखोवपाक. पूण शीलाचे बाबतींत तशें नासलें. आपल्या पाडकाक पळेनाफुडें गायेक जसो पानो फुट्टा, तेच परी शीलाचेर नदर पडटांच सिस्टर प्रिस्काच्या काळजांत आवयच्या मायेचो उमाळो फसफसून वयर येतालो. हें घडटना सिस्टरीचें मन नातीं-गोतीं, जात-धर्माचो विचार करिनासलें. थंय उप्रासताली ती फकत दोन मनाची ओड. असली ओड कीं खंयच्याच कायद्याचे फास्केंत बसोवन जोडूंक आनी तोडूंक शकना.

मीस सकाळच्या णवांक सुरू जावपाचें आसलें. पादविगार आल्तारार येवचे आदीं धा मिनटां आल्ताराकडेन हाजीर रावंक जाय, असो ते इगर्जेचो कायदो आशिल्लो जावंये! इस्कोलाच्या भुरग्यांनी पांच मिनटां आदीं, कसलोच बोवाळ करिनासतना सुवातेर बसून रावंक जाय. खंयच्याच भुरग्यान मात्सो लेगीत तोंडांतल्यान आवाज काडलो जाल्यार

तो रोखडोच साक्रिस्तांवाच्या काना मेरेन पावतालो. त्या आवाजान साक्रिस्तांवाचे दोळे मोटे जाताले. भुरग्यांक भंयान थरथरपाक तितलेंच पुरो जातालें.

आयज असेंब्ली पावणे णवांक सोंपली. भुरग्यांनीं वर्गांत पांय दिनासतना भायल्या भायर इगर्जेंत वचपाचें आसलें. पीटी टिचरान आदेश दिलो आनी भुरगीं शिस्तीन चालीक लागलीं. प्रत्येक क्लासा मुखार मॉनीटर आनी वर्गाच्या निमण्या भुरग्या फाटल्यान क्लासटिचर.

फक्त एक क्लास सोडून बाकीच्या सगळ्या क्लासीचे मॉनीटर कॅथोलीकच आसले. एके क्लासाचें मॉनीटर शीला आशिल्लें. पूण मीसाक वचच्या वेळार शीलाचे सुवातेर दुसरो मॉनीटर आसतालो.

भुरग्यांपसून शाळांगण मेकळें जातकीर सगळ्यां फाटल्यान प्रिन्सिपल सिस्टर प्रिस्का एकटीच चलताली. आयज तिच्या वांगडा शीला चलता तें पळोवन स्टाफ रूमांत चकाटां मारूंक वताली ती टिचर पीपी मदेंच थांबून भायर आयली. शीला प्रिन्सिपली वांगडा इगर्जेंत वता तें पळोवन टिचर पीपीन आपले दोळे विस्तारले. शीला इगर्जेक गेलां तें पळोवन टिचर पीपीचे तकलेर सैतानान फूंक मारली. ते बराबर टिचर पीपीन स्टाफरूमांत वचून बोवाळ घालो. शीलाचेर ती आदींच कोंत्र. तातूंत शीला माद्री वांगडा मीसाक गेल्ल्यान आतां ती चडूच खुबळ्ळी. तिका दिसलें, शीला आतां हाता भायर गेलें. अशेंच चालू उरल्यार एक दीस कॉन्वेंटांतल्यो माद्री ताका किरिस्तांव केले बगर रावंच्यो नात. हे कल्पनेन धर्मपिशी टीचर पीपी आकांतून गेली.

ही टिचर पीपी आनी मदेंच खंयच्यान आयली? तिचें खरेलें नांव प्रमिला पै. भुरगेपणांत तिच्या आवयल्या घरचीं तिका अपुरबायेन पीपी म्हणटालीं. उपरांत ती पीपी म्हूण कशी फामाद जाली, देवाक खबर! एक मात खरें, भुरग्यांमदीं ती पीपी टिचर आनी आपल्या वांगड्यांमदीं पीपी मॅडम म्हणूनच घोळटाली. पीपी म्हणून लोक आपली अपुर्बाय करतात अशें दिसतालें तिका आनी लोकांनी आपल्याक पीपीच म्हणून

उलो मारचो, अशी तिची इत्सा आसली.

शीला आतां पयलेच फावट इंगर्जेंत पाविल्लें. इगर्जेंतलें वातावरण ताका नवें आसलें. इगर्जेच्या विशाल सभाघरांत बांक घालून भक्तांक बसपाची वेवस्ता केल्या ती पळोवन शीलाक अजाप दिसलें. हिन्दुल्या खंयच्याच देवळांत ताणें असली वेवस्ता पळोवंक नासली. सभाघरांत भरपूर उजवाड आसलो. थंय पंखे तर आसलेच, पूण तांचेर पातयेवन रावनासतना, भायली हवा येवची म्हूण सगळ्या वाटांनी व्हडले वाटकुळे बुराक दवरिल्ले. इगर्जेच्या कोनशा-कोनशांनी आनी फावता त्या सुवातांनी संतांच्यो म्हुर्त्यो सजोवन अशो उब्यो केल्ल्यो की तांचेर नदर पडना फुडें भक्तांचें कितलेंय म्हेळें आशिल्लें काळीज खिणांत निर्मळ जावन वच्चें.

इगर्जेचो पादविगार शिस्तीचो. ताणें थारायल्ल्या नेमा प्रमाण तो ज्युस्त आल्ताराचेर हाजीर. फादराचीं पवित्र पावलां आल्ताराक लागलीं आनी भक्तांच्या चेऱ्यांचेर गंभिरताय फांकली. दयाळ पादविगाराचीं उतरां म्होवाळ. तीं आयकूंक सगळ्यांचे कान दक्ष रावले.

पादविगार शेरमांव कॉमेस करचे पयलीं दोन खीण थीर उबो रावन सगळ्यांचेर नदर मारतालो. सगळ्यांचें शिंतीद आपल्याचेर आसा काय ना हाची खात्री करूनूच तो आपलें तोंड उक्तें करतालो.

हे इगर्जेच्या पादविगाराचो शेरमांव म्हळ्यार बडबड न्हय. आड्डेपूय न्हय. पादविगारालें दरेक उतर काळजांत सावन घासून-पुसून आनी वेंचून भायर पडटालें. उतरान उतर काळजाच्या हातांनी जिंकून आनी झेलोवन घेवचेलें. ताचीं उतरां तोंडांतल्यान केन्ना भायर पडटात आनी इगर्जेच्या वातावरणांत तीं केन्ना विरून वतात, हाचो पत्तो कोणाक लागनासलो. तोंड उगडचे पयलीं फादर भक्तांक दिसतालो. पूण एकदां शेरमांव कॉमेस जातकीर फादर आनी आल्तार एकामेकांत भरसून वतालो. फादर आल्तारार उबो आसा तें सगळे विसरून वताले. मात फादराच्या काळजांतल्यान भायर पडिल्ल्या म्होवाळ उतरांचे सूर आयकुप्यांच्या कानार पडिल्ल्यान ते स्वताक विसरून वताले.

शीला सिस्टर प्रिस्काक तेक्कून बशिल्लें. इगर्जेचें सभाघर माद्री, टिचरी आनी शिकपी भुरग्यांनी खचाखच भरून गेल्लें. एक शीला सोडलें जाल्यार सगळीं किरिस्तांवां. मात शीलाक आपलीशी दिसताली ती फकत सिस्टर प्रिस्का! ताका लागून त्या विशाळ समुदायांत तें एकटें हिन्दू आसुनूय ताका एकटेपणाची मातय जाणविकाय जाली ना. तें सिस्टर प्रिस्काच्या आसऱ्या खाला बसून, काळजी विरयत जावन, व्हडा भक्ती भावान पाद्रीचो शेरमांव आयकूंक गूंग जाल्लें.

कोणाकय दिसतलें, शीलाक इगर्जेंत काळजी करपाचें कारणच कितें? कसलो भंय आसलो ताका त्या देवघरांत? थंय तर त्या वगतार एक पादविगार आनी ताचे एक-दोन सेवक सोडून सगळ्यो बायलो आनी चलयोच आसल्यो. पूण त्यो बायलो कॉन्वेंटांतल्यो आसल्यो आनी कॉन्वेंटांतल्यो चलयो-बायलो एकामेकाच्या आदारानूच वावुरताना दिसतात. वरिश्ठांक आपल्या जापसालदारकेची जाणविकाय आशिल्ल्यान, कनिश्ठांचेर तांचें इल्लें तरी चेपण आसताच आसता. हें चेपण हे खातीर आसता की समाजांतल्या बायलां मदीं शिस्त निर्माण जावंची. घराब्यांतलीं बायलां शिस्तीन वागल्यार भुरगीं बरे देखीचीं जातात, हो ताचो मुखेल हेत आसता जावंये!

शीलाचें मन आतां पादविगाराचो शेरमांव आयकुपांत गूंग जाल्लें. पादविगाराचें देवासांव आनी तत्वगिन्यान शीला खातीर म्हत्वाचें नासलें. हें तत्वगिन्यान पाद्रीच्या तोंडांतल्यान कशे तरेन भायर पडटा, आयकुप्यांक तें सुखदिणें आसा काय ना, देवान निर्मिल्ल्या समस्त प्राण्यांच्या हिताचें आसा काय ना हाचे कडेन शीलाचें चड लक्ष आसतालें. कारण ताचे आवयन-दुर्ग्यान ताका सांगून दवरिल्लें की ह्या संवसारांत देव एकूच आसा, आनी सगळे वेगळे वेगळे धर्म ताच्या पांयांकडेन वचपाच्यो वाटो! पुजोपासना करपाच्यो तरो वेगळ्यो आसल्यो तरी उद्देश मात सगळ्यांचो एक. ताका लागून पादविगारान शेरमांवांत देवाविशीं कितेंय सांगलें तरी शीलाक कांयच फरक पड सारको नासलो. ताचे कान आनी दोळे

पादविगाराचे प्रत्येक हालचालीकडेन लागून आसले.

पादविगाराचीं शांतकायेचीं उतरां शीलाक राणू गुरूजीची याद करून दितालीं. राणू गुरूजी मात्सो काळसो! पादविगार मात्सो गोरसो. दोगांचीय इदाद एक आसूंये! दोगूय विद्वान. उलोवपाची तराय एक शी! आपल्या विद्यार्थ्यांविशीं -भक्ताविशींची आस्था लिपोवंक गेल्यार लिपोवंक शकनासले दोगूय!

अशें आसलें तरी पादविगाराची तुळा, शीला राणू गुरूजीकडे कशेंच करूंक शकनासलें. ताकाय कारण आसलें. दोगूय विद्वान बऱ्या मनाचे. मायेस्त, मोगाळ, दयाळ हीं विशेशणां दोगांकूय लागू पडटालीं. पूण शीला पादविगाराक गुरूजी म्हणूंक शकनासलें, आनी गुरूजीक फादर! गुरूजी म्हळ्यार श्रेश्ठ, व्हडलो. शीला एक वेळ आपल्या बापायक गुरूजी म्हणूंक शकतालें, पूण इगर्जेंतल्या पादविगाराक बापूय न्हय. बापूय म्हळ्यार फादर. गुरूजी हो बापाय समान आसलो तरी ताका फादर म्हणचो न्हय, अशें शीलाचें मन शीलाक सांगतालें. 'फादर' ह्या उतरांत शीलाक परकेपण दिसतालें.

फादरा पावटीचो लोक पाद्रीक बाबा कित्याक म्हणिनांत? पाद्रीय आपल्याक 'बाबा' म्हणात म्हूण लोकांक कित्याक सांगिनात? आनी लोकूय पाद्रीक गुरूजी ना तर 'बाबा' कित्याक म्हणिनांत? 'बाबा' आनी 'गुरूजी' ह्या उतरांत जें आपलेंपण आसा. तें 'फादर' ह्या उतरांत आसूंकच शकना. जांकां कोणाक, व्हड मनशांक गुरू-बाबा बी म्हणूंक मानवना, ताणीं स्वामी कित्याक म्हणून घेवंचें न्हय? असो शीलाच्या मनांत प्रस्न उप्रासलो.

शीला हेरां भशेन शेरमांव आयकून 'देवा पाव' म्हूण ओगी बसपी भुरगें न्हय. प्रत्येक उतर आनी ताच्यांत ध्वनीत जावपी विचार बुद्धीचे साणीर घासून-पुसून पारखुपी भुरगें तें. ओगीच जाण्ट्र्यांनीं कितें तरी सांगचें आनी आपूण भुरगें म्हूण आयकून चूप बसचें, अशांतलें शीला नासलें. आपल्याक जें पटना ताचें स्पश्टीकरण मागपाक तें फाटीफुडें सरपी न्हय.

पादविगारालो शेरमांव सोंपलो. उपरांत भुरग्यां वांगडा टिचरांची एक लांबच्या लांब रांक तयार जाली. ही रांक कोमुन्यांवां खातीर आसली. सिस्टर प्रिस्काय कोमुन्यांव घेवपाचे तयारेन उठली. शीलाक कितें करचें कांयच समजलेंना. हिन्दू देवळांनी निमणे वगतार तीर्थ–प्रसाद वाट्टात. तसलें बी कितें काय हें? तशेंच कितें जावंक जाय.

सुर्वेक पादविगारान, पयशा येदें वाटकुळेंच कितें तरी धवेंच शें जणेका भक्ताच्या तोंडांत घालें. मागीर एक सेवक फुडें आयलो. पादविगारान आपलें काम ताचेर सोंपोवन तो कुशीक सरलो.

शीला आता बुचकळ्यांत पडलें. सेवकान कितें तरी आपल्या तोंडांत घालचें आनी आपणें तें गिळचें, हें ताका पटलें ना. ताणें सिस्टर प्रिस्काक प्रस्न केलो–

''मदर, इज इट कंम्पलसरी फॉर ऑल?''

''नो माय चायल्ड, नॉट ऍट ऑल! तूं इंगाच बसोन राव. हांव रोखडींच येतां.'' अशें म्हणून सिस्टर प्रिस्का रांगेंत वचून उबी रावली.

शीलाक पादविगारालो शेर्मांव आवडलो. सगळ्यांत चड ताका आवडली ती इगर्जेंतली शिस्त आनी बसपा–उठपाची वेवस्ता. कोणेंय येवचें आनी खंयीय बसचें. देवा घरांत कसलोच भेदभाव ना हाचो शीलान हांगा प्रत्यक्ष अणभव घेतलो. केद्याय व्हडल्या गिरेस्ता म्हऱ्यांत एकाद्रो भिकाऱ्यांतलो भिकारी वचून बसपाचें धाडस करूंक शकता, हाचो अणभव शीलान पयलेच खेप घेतलो.

अशें जरी आसलें, तरी हिन्दू धर्माचे ताचेर जाल्ले संस्कार ताका, त्या अडेच्या–मुजरत घडोवन हाडिल्ल्या वातावरणांत मिसळोवन विरगळून वचपाक कशीच मजत करपाक दिनासले. थंयचीं सगळीं मनशां शीलाक बरीं नितळ मनाचीं दिसतालीं. पूण थंयची सजावट, पाद्री–माद्रींचो भेस, इगर्जेच्या कोनशा–कोनशाक उबे करून दवरिल्ले पवित्र सांतांचे पुतळे शीलाक कितलेय सूख दिणें लागले, तरी शीलाचें मन तांकां आपले मानूंक तयार नासलें. शीलाक तें सगळें अडेचें आनी परकें

परकें शें दिसतालें. ताचें मन ताका सांगतालें, परक्यालें कितलेंय बरें आसलें, तरी आपलें तें आपले! एखाद्रया भिकाऱ्यांतल्या भिकारी आनी घाणयाऱ्या म्हेळ्या आवयच्या भुरग्या मुखार एक भांगरा शिंगरांनी नटिल्ली मॅडम उबी केली आनी ताका सांगलें, बाबा, ही तुजी आवय आनी मॅडमीन त्या भुरग्याक कितलींय पकवान्ना खावंक दिलीं तरी तें भुरगें आपले गरीब आवयक सोडून मॅडमी वांगडा वच सारकें ना, हाची खात्री शीलाक आसली.

शीलाक तशी खात्री आसूंक तशें कारणूय आसलें. खूबदां गिन्यानी आनी संवेदनशील शीला मुखार वैश्वीक सतां दत्त म्हूण उबीं रावतालीं. हीं सतां सैमीक आशिल्ल्यान खंयचीच गिन्यानी व्यक्ती तीं न्हयकारूंक शकनासली. आनी जो कोण तीं न्हयकारपाचो येत्न करतालो, ताका सोताचें हाशें करून घेतल्या बगर दुसरो पर्याय आसनासलो. काळ्यासावळ्या भारतीयांनी आपले चेरे कोराद करून, केंस तांबशे पिंगशे करून, युरोप्योव जावपाच्या फंदांत कित्याक पडूंक जाय? देवान-सैमान जें आमकां फाव केलां, ताचेर समाधानी आमी कित्याक म्हूण रावचे न्हय? कित्याक आमी मुजरत सुखाचो जीव त्रासांत घालचो? कित्याक अनुकरण करचें आमी गोऱ्यांचें? आनी तशें केलें म्हूण गोरे काळ्यांक आपले म्हणटले?

देवान आपले मर्जे प्रमाण वेगळ्या वेगळ्या मनशांचेर वेगळे वेगळे रंग शिंपडायल्यात. कातीर रंग वेगळे वेगळे शिंपडायले तरी मन मात रंगविरयत साफ-नितळ दवरलां. ह्या नितळ मनाचेर काळो पड्डो ओडपाचे भानगडींत मनीस जेन्ना पडटा, तेन्ना तो आपलें मनीसपण भश्टावपाचे वाटेर निश्चीत आसता. मनशान आपल्याक फाव जाल्लो देवदत्त रंग कात तासून बदलपाचे भानगडींत पडचें न्हय. गोऱ्यांक जर आपल्या गालांक काळें फासचेंशें दिसना, तर काळ्यांनी आपल्या पोल्यांक चुनो पोशोवन कित्याक भोंवचें?

खरें म्हणल्यार काळ्या मनशांक काळोच रंग आवडटा. मात

गैरसमजांतल्यान सरभोंवतणच्या गोऱ्यांची तोखणाय जाता ती पळोवन काळ्यांकूय आपूण गोरे आसचें शें दिसता.

प्रत्येक मनशाक आपलें तें प्रिय आसता. एकदां आफ्रिकेंतल्या एका अधिकाऱ्याक येवरोपांत आपोवन एक व्हड पार्टी दिली. पार्टेंत एके गोरे बायलेचो नाच दवरिल्लो. नाच सोंपतकूच गोऱ्यांनी त्या काळ्या अधिकाऱ्याक विचारलें, नाच कसो लागलो काय म्हूण. अधिकाऱ्यान सांगलें, नाच एकदम बरो जाल्लो, पूण नाचपीण काळी आशिल्ली जाल्यार नाचाक रंग चड बरो चडपाचो!

शीलाचेंय अशेंच कितें घडिल्लें. ताका शेरमांवांतलें सगळें बरें लागिल्लें. पूण खंय तरी कितें शें खटकतालें ताका. इगर्जेंतलो आनी देवळांतलो देव एक हें सत तें मानतालें. पूण इगर्जेंतलें सगळें वातावरण देशेंत आनी देवस्पणाक फाव अशें आसुनूय शीला त्या वातावरणांत निमणे मेरेन समरस जावंक पावलेंना. तरी सिस्टर प्रिस्का आनी ताचे इश्टागतीचीं पाळां मुळां मात तेन्ना सावन चडूच घट्ट जायत गेलीं. कारण दोन मनांचे ओडीक धर्म बादा हाडिना.

शीला सिस्टर प्रिस्का वांगडा मीसाक वचून आयलें. टिचर पीपीक उचापती करूंक आयतीच संद गावली. नाय जाल्यार ती शीलाचेर तापुनूच आशिल्ली. आपल्याक विश्वासांत घेनासतना कोणाय वांगडा भोंवता म्हणचे कितें? प्रिन्सिपल जाली म्हूण कितें जालें, कितलीय जाली जाल्यार खारवीण ती खारवीण! एक दीस कुजनांत व्हरून दुकराचें मांस खावयनां जाल्यार पुरो! खावयल्यार खावोंव दी. लागूं दी आवय-बापायच्या नाकाक चुनो. अशें म्हणून तोंडाक कितें येता तें बडबडत टिचर पीपी स्टाफ रूमांत गेली.

स्टाफ रूमांत पळे जाल्यार टिचर येमू एकटेंच बसून झेम मारता. टिचर पीपीच्या आवाजान ताणें फट्ट करून तकली वयर काडली.

''दोळो लागिल्लो गो येमू?'' टिचर पीपीन रातीच्या वेळार पलंगार पडून आशिल्ल्याक प्रस्न विचारतात तसो विचारलो.

“ना गो. तकली जड जाल्या मात्शी. कितें जालें गो, कित्याक व्हडल्या व्हडल्यान ताणशेता शें?” टिचर येमून दोळे चोळीत प्रस्न केलो.

“ताणशेंव नाका तर कितें करूं? नाका आसलें दिसलें म्हणटकच ओगी रावं येता गो मनशाच्यान?” टिचर पीपीन दोळे घुंवडायत प्रस्न केलो.

“अशें जालें तरी कितें गो, म्हजे कडेन बाये अशें कोड्यांनी उलोवं नाका गो! म्हजी पयलींच तकली सणसणता.” टिचर येमून तकलेर दोन धुमके घाले.

“तें शीला गो.”

“नायकांलें?”

“हय वय, तेंच तें!”

“तें बरें भुरगें मुगो. ताचें आनी कितें जालें?”

“आवंय! दोळे आसून कुड्ड्यांभशेन करता मुगो तूं!”

“ना गो बाये. देव्वाच्यान, म्हाका कांयच खबर ना.” येमूची तकली आतां सडसडीत बरी जाली.

“पोरान वगडायलें गे बाये, सामकेंत विटयलें.” टिचर पीपीन न्हयकारी अर्थान तकली हालयत म्हळें.

“अशें केलें तरी कितें गो ताणें, गेलें ना मुगो कोणायच्याय फाटल्यान?” येमून तोंड सामकें रडकुरें केलें.

“तशें केल्लें जाल्यार खूब बरें जावपाचें. पूण हें न्हय गो बाये.”

“अशें केलें तरी कितें गो बाये ताणें! शिव-शिव-शिव!” येमून फुडलें आयकनासतनाच ‘शिव-शिव’ केलें.

“कितें केलें? पळेतलें तूं थोड्या दिसांनी. ह्या माद्रीनी जर ताका आपले भशेन करून सोडलेंना, तर तूं म्हजें, फुडें नांवूच घेवं नाका.” आपलें नांव घेतले बगर येमूच्या पोटांत शिता उंडी देंवचीना ते भशेन टिचर पीपी उलयली.

“आवयस म्हजे! खरें उलयता गो तूं पीपी?”

“पळेतलेंच तूं थोड्या दिसांनीं.”

“सिरियस् मॅटर मुगो हें!”

“हयवय तसलेंच मॅटर तें.” पीपीन ‘सिरियस’ म्हणपाचे कश्ट घेतले ना.

“शी बाये, असल्यांनी आमचींय भुरगीं पेड्ड्यार जावपाचीं मुगो!”

“जातलीं तर, तें आनी उलोवन दाखोवं जाय?”

“आतां फुडें कितें गो? कितें घडटा तें उक्त्या दोळ्यांनी पळोवचेलें मुगो आमी?” टिचर येमून काळजार हात दवरून म्हणलें.

“छट! शीलाचे बाबतींत तर तशें कांय घडूंक हांव दिवचें ना. हांव आयतारा वचून शीलाचे आवयक मेळटां. कितलींय जालीं जाल्यार आमी एका जातीचीं न्हय गो? हांगा आमच्या भुरग्यांचेर आमी नदर दवरिना जाल्यार आनी कोण दवरतले?”

“खरें तुगेलें. पूण एक मात कर बाये.”

“कितें?”

“शीलागेर वताच जाल्यार शीलाचे आज्जेची भेट घे. तुज्या मनांतलें तिकाच समजतलें. देवधर्म करपी ती. शीला इगर्जेंत मीसाक वता म्हूण कळ्ळ्यार आकांत करतली.”

“तुका कशें कळ्ळें गो?”

“आवंय, हांव वळखनां तर तांकां? आमगेलीं सोयरीं मुगो तीं! पयसुल्लीं जालीं म्हण कितें जालें?”

हें आयकना फुडें टिचर पीपीन आपलो सोंडो वांकडो केलो. यमुनालो आनी येदो व्हडलो सोयरो? तरी चेऱ्यार अडेचो हांसो हाडून उलयलेंच.

“तशें जाल्यार तूंच वच मुगो तांगेर. तूं सोयरें आशिल्ल्यान तुजें आयकून घेतलीं तीं.”

“हांव? हांव ना गो बाये. म्हाका नाकात तांच्यो भानगडी.” येमून हात वयर केले.

“म्हज्या वांगडा येवपाक भानगडी कसल्यो गो येमू? कितेंय बरें करूंक वतात मुगो आमी?”

“बरें? थंय कित्याक हळदीकुंकमाक बी वता तर तूं? बरें काम म्हणटा तें! कोणाल्यो कागाळ्यो घेवन कोणागेर गेल्यार हे दवरतात गो म्हाका? त्योय येदूया व्हडल्या मनशांच्या दारांत? कोणूय लटरफटर आशिल्लीं जाल्यार एक जावं आशिल्लें. अगिन्यानी आसात, समजावया दोन उतरां. शीलाचो आवय-बापूय, दोगांय शिकिल्लीं मनशां. आपले एकुलते चलयेक कोन्वेंट स्कुलांत दाखल करचे पयलीं हजारदां विचार केला आसतलो ताणीं.”

“अब्बा, हें तुका आतां सुचलें? थोड्या वेळा पयलीं बरेंच उडटालें आनी ताणसेतालें मुगो. रोखडीच पल्टी खाली?”

“आंवय आंवय! पळेयात गे हे बायलेक, हांव पल्टी खाता खंय! हांव कोणाच्या अध्यांत ना मध्यांत. तूंच तर शीलाचो विशय घेवन बडबडत म्हज्या म्हऱ्यांत आयिल्लें. मात्सो दोळो लागिल्लो म्हाका. तुजे बडबडीन जाग आयली. ना तर येन्ना बरें फ्रेश दिसतलें आशिल्लें.”

करतां करतां दोगांचेंय मोठ्यार पडपाचें आशिल्लें. तास सोंपून बॅल केन्ना जाली हाची जाणविकाय दोगांकूय जालीना. दाराकडेन टिचरी येवन थांबल्यो तेन्नाच दोगांय शिंतिदार आयलीं.

आयज गोंयांत तरी खूबशा शाळांनी अशेंच घडटा. त्यो शाळो मागीर गांवगिऱ्यो आसूं ना तर शारांतल्यो. गोंय ल्हान आशिल्ल्यान ग्रामीण वाठारांतल्यो शिक्षक-शिक्षिका जेन्ना शारांत पावतात तेन्ना पालकांक फाव तसो न्याय मेळना.

कांय पालकांच्यो आवडी-निवडी वेगळ्यो आसतात. आपल्या भुरग्यांचेर आपल्याक फाव तशे संस्कार जावंचे अशी पालकांची अपेक्षा आसता. ताकाच लागून पालक कितलोय दुडू खर्च करून आपल्या भुरग्यांक शारांतल्या नावाजत्या शाळांत धाडटात. पूण पालकांक खबर आसना की शारांतल्या भपकेबाज शाळांनी लेगीत मॅडम पीपी आनी



मॅडम येमू सारक्यो, सगळ्या जातीधर्मांचे शिक्षक-शिक्षिका भरल्यात.

ह्या शिक्षकांनी व्हडल्यो-व्हडल्यो पदव्यो संपादन केल्यात. कोण बी. ए., बी. एड्., कोण एम. ए., डबल एम. ए. य जाल्यात. पूण खऱ्या अर्थान शिक्षक म्हणपाचे थोडेच मेळटात.

खरें म्हळ्यार टिचर पीपीक शीलाचे वाटेक वचपाचें कांयच कारण नाशिल्लें. शीला मीसाक गेल्लें, तें उक्तेपणान. तें मीसाक गेलें म्हूण कोणाचेर मळब बी कोसळून पडटलें, अशें समजुपाचें कोणाक कारण नासलें. मीसाक गेलें म्हण कोण किरिस्तांव जायना, हाची जाणविकाय जे टिचरीक आसना, ते टिचरीक आपूण एक बरी शिक्षिका म्हणून घेवपाचो अधिकार नासता.

बरी शिक्षिका वा शिक्षक सदांच कर्तव्य तत्पर आसता. दुसऱ्याच्या अधिकारांत केन्नाच मेत्यार जायना. शीला मीसाक गेलें म्हण टिचर पीपीक शेंपडी बडोवपाची कसलीच गरज नाशिल्ली. शीलाचें बरें-वायट पळोवपाची जापसालदारकी स्कुलाच्या प्रिन्सिपलीची आसली. आनी हांगा तर शीला प्रिन्सिपली वांगडाच मिसाक गेल्लें. अशें आसतना टिचर पीपीक शीलाचे बाबतींत दुसऱ्याक त्रासांत घालपाची कसली गरज आसली?

कांय मनशांचो सभावूच असो आसता की तो खंयीं गेलो जाल्यार आपल्या कर्तव्याकडेन आडनदर करून आपूण कोण तरी विशेश आसां, हें दाखोवपाचो प्रयत्न करता. हाच्या फाटल्यान तांचें स्वहीत लिपिल्लें आसता.

टिचर पीपीय तांतलीच एक. तिका किरिस्तांवपण कितें तें खबर नाशिल्लें. हिन्दुत्वाचीय तिका आसूंक जाय तितली जाणविकाय नाशिल्ली. तिका एकूच खबर आशिल्ली आनी ती म्हळ्यार वचत थंय राजकारण करून आपल्याक जाय तें मेळोवपाचें.

हांगा ती प्रिन्सिपलीच्या वाकड्यांत आसा. प्रिन्सिपल खारवीण आनी शीला उच्चकुलीन. एक उच्चकुलीन भुरगें आपूण आसतना एके

खारवीणीकडेन इश्टागत करता म्हणचे कितें? टिचर पीपीचें दुख्ख तें हेंच.

हो जातीयवादाचो किडो फकत टिचर पीपीच्याच मेंदवांत वळवळटा अशें न्हय. समानतायेचें तत्वगिन्यान सांगपी हेर धर्मांतल्या लोकांचे तकलेंतल्यानूय तो अजून भायर पडपाचो आसा.

:१८:

मिसाक वचून सुखाचो जीव दुखांत घालो अशें आतां शीलाक दिसूंक लागलें. आपल्याक लागून प्रिन्सिपलूय त्रासांत पडल्या हाची जाणविकाय आतां शीलाक जावंक लागली! हें सगळें घडटा तें टिचर पीपीक लागून. इस्कोलांतलें एक हिन्दू भुरगें इगर्जेंत गेलें वो एक किरिस्तांव भुरगें देवळांत गेलें म्हूण कोणालो धर्म बूडऽ सारको ना, ही ल्हान-सान गजाल टिचरीक समजू नये, हाचें शीलाक अजापह दिसलें.

पूण शीलाक दिसता तशी टिचर पीपी अडाणी आनी सादीय नासली. मात्सी धर्मपिशी आसली तरी धर्माचो उपेग ती तीख धारेच्या शस्त्रा प्रमाण करताली. आपूण सांगता तशें घडना आनी आपल्याक जाय तें गावना जाल्यार खंयच्याय थरार चडूंक ती एका पांयार तयार आसताली. ताकाय कारण आसलें. टिचर पीपीलो भाव, नारायण भेंडो मुरिल्लो राजकारणी. थळाव्या आमदाराचो कार्यकर्तो. पयशां खातीर तत्वबित्व कडासेक लावन दवरपी. खुनशी वृत्तीचो मनीस तो! धाक दाखोवन केदेय व्हडल्या मनशाक आपल्या ताब्यांत दवरून, ताका आपल्याक जाय तसो बागोवन, आपल्याक जाय तसो ताचो उपेग करून घेवपी.

कुटुंबांत वावुरपी एकट्याचो वसो दुसऱ्याक लागप असो कांय नेम नासता, पूण पीपीचे बाबतींत मात भावाचो वसो भयणीक लागिल्लो. भुरग्यांक शिकोवपाचें काम ती करताली. पूण फकत म्हयनो जातकीर भरपूर पयसो हातार पडटा म्हणून. तेच पासत ती शाळेंत तिगून आसली

हो वेळ मेरेन. शाळेंत ती कशीय वागूं, कितेंय शिकोंवं, तिका जाप विचारपाचें धाडस ना वेवस्थापनाच्या मनशांक जातालें, ना सरकारी दरबारांतल्या अधिकाऱ्यांक. तिच्या आड कोणेंय एक उतर भायर काडलें जाल्यार ती रोकडीच आपल्या भावाचे कान फुंकताली. मागीर भाव खंयच्याय वेळार इस्कोलांत येवन प्रिन्सिपलीक धमकायतालो. अशें करपाक ताका वेळ-काळ लागनासलो. सामकाराक कोण आसा-ना, हाचीय ताका परवा अशी नासली. ताच्या खातीर शाळा आनी नुस्त्याचो बाजार एकूच!

नारायण भेंड्याच्या असल्या करण्यांक लागून भाव-भयण त्या इस्कोलांत फामाद जाल्लीं. थंय भंयाचें वातावरण निर्माण जाल्लें.

कोणाकूय दिसतलें, हें इस्कोल कॅथोलीक समाजाचें. तांतल्या तातूंत माद्रीलें. अशें आसतना इस्कोलाची प्रिन्सिपल नारायण भेंड्याच्या धमकावण्यांक भीक कित्याक घालता? ती फोन करून पुलिसेक कित्याक आपयना? इस्कोलाच्या कर्मचाऱ्यांक ओर्द दिवन भेंड्याच्या भेंडार खोटो घालून ताका दरवंट्या भायर धांवडावन कित्याक घालिना?

ताकाय कारण आसा. थळावो आमदार मंत्रीपदार आसा. नारायण भेंडो हिन्दू आसलो तरी मंत्री किरिस्तांव. असल्या वगतार ताका किरिस्तावां परस नारायण भेंडो व्हड. कारण भेंड्याच्या वाड्यार आठशीं मतां आसात. तांतलीं पन्नासेक भायर काडलीं जाल्यार उरिल्लीं भेंड्याक जाय थंय पडपाचीं. अर्थात हीं मतां हेवटेचीं तेवटेन जालीं जाल्यार मागीर सद्याचो आमदार भलतोच जावपाचो. देखून त्या मतदारसंघांतल्या अमदाराक भेंड्याचें म्हत्व खबर आशिल्लें. हाका लागून त्या मतदार संघाचो खरेलो मंत्री भेंडो म्हणूं येतालें! वीस-बावीस हजार मतदारांचेर तो खरेल्या अर्थान सत्ता गाजयतालो तो नारायण भेंडो. देखून तो कितें उलयता आनी करता तें जालें त्या मतदारसंघांत. मंत्री ताच्या हातांतलें बावलें! पुलिसूय तागेलेच.

खरें म्हळ्यार मतदार संघांत किरिस्तांव लोक हिन्दू परस चड. पूण

भायले घांटी लोक येवन मतदार संघांत भरिल्ल्यान किरिस्तांव उमेदवार वेंचून येवपाची खात्री आसना. आनी किरिस्तावांक तर आपलोच म्हळ्यार किरिस्तांवूच उमेदवार वेंचून आयिल्लो जाय, ताका लागून आमचे किरिस्तांव भाव कितेंय सोसूंक तयार आसात. वगतार हिन्दूंचे पांय धर. घाटयांक वेंग मार. नारायण भेंड्या सारक्या गुंडान इस्कोलांत वचून भुरग्यां सामकारा टिचरींक-माद्रींक धमकायल्यारूय कोणाक वांकडें दिसना. असल्या वेळार आमी सगळे एक. जात-धर्म, भायले-भितरले कोणाक बादनांत. आमी सगळे भाव-भाव, आमी सगळे भारतीय!

आयज सातशें-आठशें मतांच्या बळार नारायण भेंडो, एक हिंदू सगळ्या जाती-धर्माच्या वीस-बावीस हजार लोकांक नाचयता. फाल्यां एकाद्रो असलोच फुडारी गोंयां भायल्यान येवन पुराय गोंयकारांक आपल्या तालार नाचोवंक शकता. तोय गोंयकारां इत्से आड! पाडे आनी दुश्ट मनीस सरळ-साद्या मनशांक आपल्या पांयांकडेन नाक घासूंक लावंक शकतात. आपल्याक जाय तशें घडलें ना जाल्यार, बऱ्या आनी सतान वागपी लोकांचें जिवीत सासणाचें दुख्खी करून सोडूंक शकतात.

आयज सिस्टर प्रिस्काच्या निर्मळ आनी पवित्र जिवीताक गिराण लागलां ताचेंय कारण हेंच. आपल्याक जाय तें सिस्टर करूंक तयार ना, हाका लागून टिचर पीपी तिचेर दीस-रात जळटाली. तिका बदनाम करपाची एकय संद सोडपाक ती तयार नाशिल्ली. स्कुलांच्या सगळ्या शिक्षिकांक, माद्रींक आनी हेर कर्मचाऱ्यांक ही गजाल खबर आशिल्ली. तरी टिचर पीपीआड कोणूच वचूंक तयार नाशिल्लो. उलट टिचर पीपीकूच तांतल्या कांय जाणांचो तेंको मेळटालो. तशें केल्ल्यान तांचो फायदो आशिल्लो. तो म्हळ्यार नारायण भेंडो मंत्र्याक सांगून तांचीं वैयक्तीक कामां करून दितालो.

मंत्रीय न्याय-नीत सगळी कडासेक लावन आपल्या मतदाराचे मजतीक धांवन वतालो. मतदार, तो मागीर चोर, फटींग वा गूंड आसूं. आपूण करता तें वायट हाचीय मंत्र्याक पुराय कल्पना आसूं! तरी आपल्या

सुवार्थाक लागून बऱ्या आनी नितीमान मनशांक दुख्ख भोगचें पडटा, हाचो विचार तो मंत्री करिनासलो.

एके वर्सुके परिक्षेक एक भुरगें हिन्दींत नापास जालें. विशय शिक्षिका टिचर पीपी. भुरग्यान पेपरार वाकडें तिकडे कितेंय तरी बरयल्लें जाल्यार टिचर पीपी ताका मार्क दिवन कशेय तरेन पास करतली आसली. पूण भुरग्यान पेपराचेर फक्त 'पी-पी-पी' अशें बरोवन पेपर दिल्लो. टिचर पीपीक तर तें भुरगें कशेय भशेन हिन्दींत पास जाल्लें जाय आसलें. आतां कितें करतली? आपल्याक खबर आशिल्लो एक नियम घेवन ती प्रिन्सीपलीकडे गेली.

"मादर!"

"एस् मॅडम पीपी, प्लीज सीट डावन!"

"एक व्हडलो प्रॉब्लेम जाला." आपल्याचेर एक व्हडलें संकश्ट आयिल्ल्या भशेन टिचर पीपीन तोंड वांकडें-तिकडें करून प्रिन्सिपलीक सांगलें.

"कितें जालें मॅडम पीपी!"

"मादर, णवेंतलें एक भुरगें हिन्दीत फेल जालां."

"एकाच विशयांत फेल जालां?" प्रिन्सीपलीन पीपीच्या तोंडाकडेन गंभीरतायेन पळेत प्रस्न केलो.

"ना मादर, तशें तें चडश्या विशयांत फेल जालां." टिचर पीपीन मान खाला घाली.

"तोहें जाल्यार जावं नी फेल ताका. हिन्दींतूच फेल जालेलें जाल्यार कितेंय कोरूंक जाता न्होंय?"

"ना मादर, तें भुरगें कशेंय करून पास जावंकच जाय."

"शिकोंना जाल्यार कोहें पास जातोलें मॅडम पीपी, सांग पोवया?" प्रिन्सिपलीन खंती जावन म्हळें.

"मादर, तुमच्यांनी ताका पास करूं येता."

"कोहें मॅडम पीपी!" प्रिन्सिपलीन वाजेवन म्हळें.

‘‘रिजल्ट विथहेल्ड करून. रिजल्ड डिक्लॅर करचो न्हय त्या भुरग्याचो. इस्कोल कोमेस जातकीर थोडे दिसांनी क्लासांत बसोवपाचें. गेल्ल्या वर्सा तुमी तशें केलें ना? म्हजेच क्लासींतल्या दोगांक तुमी रिजल्ट राखून दवरून मागीर तांकां वयल्या वर्गांत बसयल्यांत. तोच नेम हाका लावया.’’ टिचर पीपी कायद्याची भास उलयली.

‘‘तीं भुरगीं हे भशेन फेल जांवनासलीं मॅडम पीपी! तीं कांय सोब्जेक्टांत बोऱ्या मार्कांनी पास जालेलीं. एक-दोन सोब्जेक्टांत तांकां फावो तितले मार्क मेवोंक नाहले देखून तांचो रिजल्ट विथहेल्ड केलेलो. आतां हाका तोहें जाता जाल्यार पोवचें पोडटोलें. ताचे मार्क झेवन यो.’’ प्रिन्सिपलीन पुरावो मागलो.

‘‘ना मादर, तशें केल्यार हें म्हजें भुरगें कशेंच पास जावपाचें ना. तुमी फक्त ताचो ‘रिजल्ट विथहेल्ड करतां.’ म्हूण उतर दिवपाचें. फुडलें काम हांव करतां.’’

‘‘फुडलें काम आनी कोहलें?’’ प्रिन्सिपलीन अजापान म्हळें.

‘‘सब्जेक्ट टिचरीकडच्यान मार्क वाडोवन घेवपाचें. हांवें सांगल्यार खंयचीच टीचर ना म्हणपाची ना आनी अशें करतना तुमचेर कसलेंच बगलांट येवचें ना. सगळें हांव पळोवन घेतां.’’ आतां मात येदो वेळ थंड आशिल्ल्या प्रिन्सिपलीचो पारो खिणांत वयर चडलो.

‘‘तूं पोवोन झेता? तुहां कोणे रायट दिला पोवोन झेवपाक? ह्या स्कुलाची प्रिन्सिपल कोण, तूं वो हांव? हांव हिंगा बोसोन आहां ती कित्याक? टिचरी आनी पेरेंटां सांगता तितलेंय आयकोंक? मॅडम पीपी, माहां कायदो सांबावंक जाय! आतां वोच, आनी कितें सारकें आहा तेंच मोकोडे झेवन यो.’’

प्रिन्सिपलीच्या तोंडांतल्यान इतलीं कडकसाणीचीं उतरां भायर पडिल्लीं पयलेच फावट आयकताली टिचर पीपी. ती केदो वेळ प्रिन्सिपलीच्या तोंडाकडेन पळेत रावली. प्रिन्सिपलीचो चेरो शांत दिसतालो खरो, पूण भितरले भितर ती रागान फणफणटा हें लिपून

उरनासलें. टिचर पीपी समजली. आतां आपलें हांगा शाणेपण चलऽ सारकें ना. ती फट्ट करून उठली. दोन पावलां नेटान फुडें गेली. दाराकडेन वचून थांबली आनी अशे तरेन तिणें प्रिन्सिपलीचेर नदर मारली की तातुंतल्यान तिणें धमकेचो अणभव घेवचो.

इतलें जाल्या उपरांत ती ओगी बसली जाल्यार टिचर पीपी कसली? दोनूच धेंपानी ती स्टाफरूमांत पावली. मेळ्ळें तें कदेल घेवन ताचेर थपकली. तकली मेजाक तेकोवन बसली. हेर टिचरींक दिसलें, टिचर पीपी तकली उसळपाचें धोंग करता. धोंगां करता म्हणपाचें कारण, असलीं नाटकां करपाची संवय स्कुलांतल्या बऱ्याच टिचरींक आशिल्ली. आजय तड्डखी पीपीचेर कोणें गंभीरतायेन लक्ष दिलें ना.

आपल्याचेर कोणाचें शिंतीद ना तें पळोवन टिचर पीपी भितरले भितर जळफळ्ळी. 'हीं मेजाक तकली तेंकयतात तेन्ना हांव तांची खबर घेतां आनी आतां बसल्यांत चकाटां मारीत. हे फुडें कोणय मेल्यार लेगीत म्हऱ्यांत वचपाचीं ना हांव.' टिचर पीपी मनांतल्या मनांत धुसफुसली.

त्या वेळार बऱ्योच टिचरी फ्री आशिल्ल्यो. पीपी सोडून सगळ्योच गजालीनी गूंग जाल्ल्यो. पीपीचेर कोणाचेंच लक्ष नाशिल्लें. केन्ना मेरेन ती तशीच बसून रावतली? तिणें आतां 'सोंक सोंक' केलें. शेमडें आयलें ना तरी तिणें लेंस नाकाकडेन व्हेलो.

टिचर पीपीलें 'सोंक-सोंक' सगळ्यां आदीं आयकूंक आयलें तें मॅडम सिल्वियाक. ती फट्ट करून उठून टिचर पीपी म्हऱ्यांत धांवली.

''व्हॉट हॅपन्ड मॅन? व्हाय आर यू क्रायिंग? मांऽऽय सामकें घामेलां मुगो तूं?''

सिल्वियान अशें म्हणटांच टिचर पीपीन रडना आसतनाच आपूण रडटाशें दाखोवपाक ''हो-होऽऽऽ...'' करून ताळो मेकळो केलो आनी सिल्वियाक घट्ट वेंग मारली. पीपीचें रडें आयकना फुडें सगळ्यांचो आवाज बंद. सगळ्यांक दिसलें, टिचर पीपीचो लागसारचो कोणय तरी शेर्त खंवसला! सगळ्यो एकाच दमान उब्यो रावल्यो. उपरांत सडसडीत

वचून ताणीं टिचर पीपीक रेवाडो घालो. आतां मात ह्या रेवाड्यान टिचर पीपीचें आंग खऱ्यानीच भिजून चिप्प जालें.

"कोणाक कित् जालें गो?" येदो वेळ इंग्लिशींतल्यान उलयतल्या टिचरींक आतां कोंकानीची याद जाली.

"कोणूय तरी जेलो गो?" आनी एक टिचर उलोवन मेकळी जाली.

"तियेचो आंकोल बरो नाहलो गो. हांतरूणारू पोडोन आहलो." टिचर सिल्वियान जितीच फटास मारली.

"कोण मरूंक ना म्हजो. सगळीं बरीं ठणठणीत आसात. ही तिणें काळीज दुखयलें म्हजें."

"ही तिणें" म्हणटकच सगळ्यो टिचरी एकामेकांक पळेत रावल्यो.

"तुमी कित्याक अजापान पळेतात? तुमकां म्हणूं ना हांवें. ती प्रिन्सिपल म्हजेर सदांच दोळो दवरून आसा. आतां केबिनांत आफोवन घेवन गरजे भायर तापयलें म्हाका. म्हज्याच फाटल्यान हात धुवन लागल्या ती." टिचर पीपी किळांच मारिल्ल्यावरी उलयली.

"पूण तापोयली कित्याक तें तोरी सांग आमहां." एके टिचरीन प्रस्न विचारूंक जाय म्हूण विचारलो.

"म्हाका तापोवंक तिका कारण कित्याक जाय? हांव हिंदू न्हय गो? म्हाका पळेनाफुडें तिची तकली सणसणटा. सामकी पिशी जाता ती म्हाका पळेतकीर?" टिचर पीपीचें स्पश्टीकरण आयकतकीर सगळ्यो टिचरी आपापले सुवातेर वचून बसल्यो. एक टिचर सिल्विया सोडल्यार कोणाकूच टिचर पीपीलें उलोवप मानवलें ना. सगळ्यांक खबर आशिल्ली की प्रिन्सिपल सदांच जातीयवाद-धर्मवादापसून पयस रावता. ताकाच लागून ती हिंदू भुरग्यांक मीसाक धाडिनासली. स्कुलांत सेमानंतल्यान दोन वरां धर्मशिक्षणा खातीर आसतालीं. केन्ना केन्नाय धर्मशिक्षण दिवपाक पाद्रीय येताले. पूण प्रिन्सिपल हिंदू भुरग्यांक पाद्री म्हऱ्यांत केन्नाच धाडिनासली. स्कुलांत देडशेंक हिंदू भुरगीं शिकतालीं. तांकां सगळ्यांक वेगळीं बसोवन तांकां नितीशास्त्र शिकोवपाची खास वेवस्था केल्ली

प्रिन्सिपलीन. चडशीं भुरगीं टिचर पीपीचे सुवादीन केल्लीं. तिकाच मुखेल केल्ली त्या विशयाची. टिचर पीपीनूच तें मुखेलपण मागून घेतिल्लें आपल्याकडेन. हेत हो की सगळीं हिंदू भुरगीं आपले आज्ञेंत आसचीं.

टिचर पीपी खंयचेय तरी एके हिंदू संघटनेची वांगडी आशिल्ली. संघटणेचो हेत वायट नासलो. पूण टिचर पीपीचो संबंद राजकारण्यांकडेन आशिल्ल्यान ती संघटणेचो दुरूपेग करून घेताली. संघटणेच्या नांवाची बदनामी करताली.

प्रिन्सिपलीचे बाबतींतूय पीपीन तेंच केलें. सुण्याचेर फातर खंयीय बसलो तरी तें एका पांयांर कुट्टा तशेंच पीपीन स्कुलांत केलें. पीपीक खबर आशिल्ली, तिणें व्हड चूक केल्या. पूण ती सुदारपाची सोडून प्रिन्सिपलीक धडो शिकोवपाक, तिका त्रासांत घालपाक पीपीन धर्माचो आदार घेतलो.

मनीस जेन्ना खरो आसना, तेन्ना तो आपल्याक जाय तें मेळोवपाक दुसऱ्याचेर अन्याय करता. अशें करपाक तो आवय-बापूय नाशिल्ल्या धर्माचो हक्कान वापर करता. हें फक्त हिंदूच करिनात तर सगळ्या धर्माचीं मनशां मनांत कसलोच भंय आनी धास्त बाळगिनासतना करतना दिसून येतात. कारण तांचो खऱ्या देवाचेर भावार्त आसना.

हांकांच आमच्यांनी समाजांत वावुरपी सैतानाचीं पिलां म्हणूं येता. समाजाक आनी अख्ख्या देशाक हीं पिलां पोखरून पोकळ करतात. तरी ह्या पिलांक ना करपाची ताकत विद्यमान लोकशायेंत ना. आम जनता जो मेरेन शाणी जावपाचो प्रयत्न करची ना, तो मेरेन टिचर पीपी आनी नारायण भेंड्या सारके दुश्ट, सिस्टर प्रिस्का असल्या साद्या, सरळ, निर्मळ, आनी स्पश्ट उलोवपी मनशांक सुखान जगूंक दिवचे नात.

प्रिन्सिपल आपल्याक जाय तशें करिना म्हण टिचर पीपी उचंबळ जाली. 'हे खारविणीक हांव आतां बुद्द शिकयतां' म्हणून तिणें मातय कळाव करिनासतना धांवून वचून आपल्या भावाचे कान फुंकले. नारायण भेंड्याकय आपले भयणीची कागाळ आयकून फुरफुरी मारली. तो आपले

भयणीक गाडयेंत बसोवन तिका मंत्र्याकडेन घेवन गेलो.

आपल्या कॅबिनांत केदेय व्हडले कितलेय मनीस बसून आसले तरी नारायण भेंड्याक भायर बसोवन दवरपाची कापाजदाद मंत्र्याक नाशिल्ली. नारायण भेंडो आयिल्ल्याची सुलूस मंत्र्याक लागली तेन्ना तो कॅबीन सोडून भायर आयलो. भेंड्याच्या खांदार हात घालून ताका घेवन तो कुशीक गेलो. उब्यानीच पीपीची कागाळ मन लावन आयकून घेतली. प्रिन्सिपलीक खारवीण म्हणपी पीपी मात मंत्र्याकडेन, बाजारांतले नुस्तेकान्नी भशेन व्हडल्या व्हडल्यान उलयताली.

मंत्र्यान खरें कितें आनी फट कितें हाचो मातय विचार केलो ना. नारायण भेंडो आपलो मुखेल कार्यकर्तो. ताका लागूनच आपूण सत्तेर आसां. ताचें काम जावंक जाय म्हणचे जावंक जाय. तें मागीर कसलेंय आसूं!

''आय व्हील सी हर टुमारो. डॉन्ट व्हरी. यू मे गो नाव.''

आयज आमच्या राज्यांत सगळेकडेन अशेंच घडटा. 'आम आदमी' नी वेंचून दिल्लें सरकार निर्मळ मनाच्या आनी कायद्याच्या आदारान चलपी सिस्टर प्रिस्का असल्या मनशांक न्याय दिवंक शकना. सरळ मार्गी मनीस आयज न्यायालयाकडेन दुबावान पळेता. सताक आयज गिराण लागलां. प्रत्येक गुंड आयज न्यायालयांतल्यान हड्डें फुडें काडून भायर पडटा. सूर्य तांचो गुलाम जावन तांच्या चेऱ्याचेर उजवाड घालता!

टिचर पीपीक धांवडावन घाली आनी ते रातीकडेन प्रिन्सिपलीक मातय न्हीद पडलिना. टिचर पीपीक भियेवन न्हय. आपूण जिजसच्या नांवान, ताचेर भावार्त दवरून हें येदें व्हडलें स्कूल चलयतां, भुरग्यांक बरी देख दितां, कोणाकूच दुखोवपाचो विचार लेगीत मनात हाडिना तरी टिचर पीपी आनी टिचर सिल्विया आपल्या फाटल्यान हात धुवन लागल्यांत, हाचें तिका अती दुख्ख भोगतालें.

एक पर्याय तिच्या मुखार उबो आसलो. आनी तो म्हणल्यार स्कुलांत शांतकाय नंदोवपाक थोडीशीं गुड्डुलसांवां करून, पीपीक जाय त्या

भुरग्यांक पास करून सोडप. तेंय आपल्या अधिकारान. कोण्णाक कळनासतना. पूण त्याच खिणांत तिचें दुसरें मन काळी नागीण जावन, तिच्या सामकाराक फोंस्स करून उबें जालें. म्हणूंक लागले–

'खबरदार असलें पातक करून बसशीत जाल्यार. तूं जें कितें करूंक सोदता ती शांतकाय थारची ना. तो एक अनर्थ जावन पडटलो. तुज्या मनांतलें करून घडये तूं एक बरी प्रिन्सिपल म्हूण वावुरशीत. हांगा प्रिन्सिपल अडेची. आयज आसत फाल्यां ना. पूण सिस्टर प्रिस्का म्हूण मात सांसणाची सोंपतली तूं. मागीर तूं तकली वयर केन्नाच काडूंक पावचिना. हें स्कूल सोडून तू खंयींय गेली जाल्यारूय तुवें केल्लें हें पातक तुजी केन्नाच फाट सोडचें ना. इतलेंच न्हय, ज्या कारणाक लागून शीला तुका व्हड मानता, तें कारणूच ना जाल्ल्या कारणान शीला तुजेपसून पयस जातलें आनी तूं एकटी पडटलीं.'

प्रिन्सिपलीचे मन–नागीणीन तिका थीर केली. तिणें थारायलें, येवंदी केदींय व्हडलीं संकश्टां. तांकां धिरान झूज दिवपांतच मनीसपण आसा. देवाचे कृपेन सगळें बरें जातलें.

तिणें आतां जेजूची म्हूर्त दोळ्यांकडेन हाडली. तिचो मनांतल्या मनांत उमो घेतलो. तिच्या मनांत दाटिल्लीं काळीं कुपां खिणांत पयसावलीं.

कोंब्या सादार न्हिदेन तिका अचळय आपल्या गोपांत घेतली.

:१९:

टिचर पीपीचें आयज वर्गार मातय शिंतीद नासलें. वर्गांत भुरगीं आड्डेतालीं आनी टिचर पीपी भायर–भितर पासयो मारताली. हेर वर्गांनी पुराय शांतताय आनी टिचर पीपीलो वर्ग मात अशांत! सिस्टर प्रिन्सिपलीच्या हें लक्षांत वचूंक कळाव लागलोना. ही गजाल तिका नवी नासली. हे आदीं टिचर पीपील्या वर्गांतलो गोंदळ तिणें खूबदां दोळ्यां आड केल्लो. पूण कालच्या प्रकरणान प्रिन्सिपल चड दुखवल्ली. ह्या

फुडें टिचर पीपीचो कसलोच अपराध दोळ्यां आड करचो न्हय अशें कालच्या प्रकरणा उपरांत तिणें थारायलें.

ती आतां कॅबिनांतल्यान हळूच भायर सरली. संथ पावलांनी टिचर पीपीच्या वर्गा दिकेन चलत रावली. ती वर्गा भायर पावली आनी भुरगीं बोवाळ करपाचीं थांबलीं.

प्रिन्सिपल वर्गाभायर उबी रावन आपल्याक तेळटा, हाचें भान टिचर पीपीक नासलें. ती जनेलाकडेन उबी रावन दरवंट्या दिकेन कोण येता-वता हाचेकडे लक्ष दिवन आसली. वर्गांतलीं भुरगीं बोवाळ घालपाचीं अकस्मात कित्याक थांबलीं, हाचो विचार लेगीत तिणें केलो ना. तिच्या मनांत घोळटालो तो फकत प्रिन्सिपलीचो बदलो. मंत्री केन्ना येतलो आनी प्रिन्सिपलीक जाप केन्ना विचारतलो, ह्या खिणाची वाट टिचर पीपी पळेत आसली.

भुरग्यांचो बोवाळ थांबलो. आतां पीपीच्या तोंडाक लागून कांयच आदाव ना, अशें चिंतून प्रिन्सिपल आयिल्ली तशी परत वचून आपल्या केबिनांत बसली.

इतल्यान दरवंट्या भायर एक गाडी उबी जाली. धव्या रंगाची. मंत्र्याचे गाडयेक तांबडो दिवो आसता. हे गाडयेक तशें कांय नासलें. शिवाय मंत्र्याचे गाडयेक टिचर पीपी वळखताली. मंत्र्याची गाडी आसली जाल्यार टिचर पीपी धांवून गेटीकडेन वतली आसली. पूण गाडयेंतल्यान भायर आयिल्लो मनीस मंत्री आसपाचीं चिन्नां टिचर पीपीक दिसलींना. तो एकटोच आसलो. स्वता गाडी घेवन आयिल्लो. ताचो भेस असो आसलो, की ताचेर कोणाची नदर पडल्यार तो एक ट्रक ड्रायव्हर ना तर पिकपवालो दिसचो. जीन पेन्टीचेर पट्ट्यांचो बुशर्ट, केंस पिसुडलेले, मुखामळ काळशेल्लें. तरी दरवंट्या वयल्या शिपायाक तो सादो दिसलो ना. शिपायाकडेन कांयच उलयनासतना तो दरवंट्या भितर सरलो, तेन्ना मात ताका शिपायान हटकिलो.-

‘‘हे पात्रांव, हुंय वोयता? कोणाक सोदता? पयलीं हिंगा सांगच्या

जायें!''

''ऑफीस हुंय आहा, माहां प्रिन्सिपालीक मेडच्या जायें.'' मंत्री आपल्या भेसाक सोबता तसो उलयलो.

''पात्रांव, हे वोगतार प्रिन्सिपाल कोणा मेडों ना. वोगोत पासार जालो.'' शिपायान इस्कोला कायदो सांगलो.

''तूं माहां ओडकोना?'' मंत्र्यान शिपायाचेर दोळे मोटे केले. खीणभर तसोच पळेत रावलो आनी उलयलो.

''हांव मोंत्री मुरे हिंगचो.'' मंत्री म्हणना फुडें शिपाय दचकलो. तरी ताका दुबाव मारिल्लोच. ह्या आदीं गांवांत कसल्या तरी कार्यक्रमांत एक-दोनदां पळेल्लो ताणें ताका. तोय पयसुल्ल्यान. देशेंत आसतना. आतां हाका पळोवन शिपायाक दिसलें कीं हो कोणूय तरी टायर बी रिमोल्डींग करपी केरलायट आसतलो.

''सॉरी सोर, हांव होऱ्यांनीच ओवकोलो ना तुकां.'' शिपाय काचाबूल जावन उलयलो.

''चोल आतां, प्रिन्सिपाल हुंयचे कोडे बैसोता ती दाखोय म्हुका.''

''व्होय सोर, दाखोयतां सोर, चोल सोर.'' करीत शिपाय ताकतीकेन प्रिन्सिपलीच्या कॅबिना दिकेन चलूंक लागलो. फुडें शिपाय आनी फाटल्यान मंत्री.

शिपाय ताकतीकेन चलता तें टिचर पीपीच्या लक्षांत आयलें. हो इतके ताकतीकेन चलपी मनीस न्हय. कितेंय तरी गडबड आसा. तिणें बारीकसाणीन त्या अनवळखी मनशाचेर नदर मारली. पळे जाल्यार मंत्री. टिचर पीपी आकांतली. तिणें कळाव केलो ना. दोनूय हातांनी साडी वयर काडून इस्कादेचीं सपणां सकयल देंवली. ती 'सर-सर-सर' म्हणीत आकांतून सकयल पाविल्ली मात, तिच्या एका पांयांचें उंच खोटांचें सँडल परतलें आनी ती साडयेक घुसपून खाला पडली. तरी बरें तिका कसलीच दुखापत जाली ना. एका पांयांचें सँडल मात तुटलें.

आनी कोणूय टिचर पडिल्ली जाल्यार तिच्या वर्गांतलीं भुरगीं

किंळांच्यो-हुयेली मारीत भायर येतलीं आशिल्लीं. पूण हांगा तशें कांय घडलें ना. एकान एक भुरगें आपले सुवातेर बसून रावलें. हां, कांय भुरगीं 'खू-खू' करून भितरले भितर हांसलीं मात.

आपल्याक कसलीच दुखापत जावंक ना तें पळोवन टिचर पीपीन तुटिल्लें सँडल हातांत धरून, दुसरें काडिनासतना लंगडत-लंगडत ती मंत्र्या म्हऱ्यांत धांवली.

"मॅऽम पीपी, आर यू ऑल रायट?" शिपायाकडेन कोंकानीन उलोवपी मंत्री टिचर पीपीकडेन इंग्लीशींत उलयलो.

टिचर पीपीन आतां शिपायाक ताचे सुवातेर धाडून दिलो. तिणें आतां मंत्र्याचो ताबो स्वताकडेन घेतलो. पांयांतलीं दोनूय सँडला थंयच सोडलीं. मंत्र्याक घेवन ती उकत्या पांयांनी प्रिन्सिपलीच्या कॅबिनाकडेन गेली. मंत्र्याक भायर उबो करून ती कॅबिनांत गेली.

"सिस्टर, मिनिस्टर इज कम. ही इज स्टँडींग आवट सायड."

टिचर पीपीक कॅबिनांत पळोवन प्रिन्सिपलीच्या कपलार आटयो पडल्यो. मात्सो वेळ तशीच ती पीपीच्या मुखामळाचो नियाळ करीत रावली आनी कोणूय जाल्यार मंत्री आयला हें कळना फुडें धांवपळ करतली आसली. प्रिन्सिपल कदेली वेली उठली ना. टिचर पीपीचो मंत्र्याकडेन लागसारचो संबंद आसा, हाची जाणविकाय प्रिन्सिपलीक आदीं सावन आसली. कालच्या प्रसंगाची टिचर पीपीन कागाळ केल्या म्हणून मंत्री ताची जाप विचारपाक धांवून आयला, हाची तिका पुराय खात्री जाली.

"सेंड हीम" अशें म्हणत प्रिन्सिपल कदेलीवेली उठून दारा मेरेन पीपी फाटल्यान गेली. फर्मालदाद म्हूण!

टिचर पीपी मंत्र्याक घेवन भितर आयली. प्रिन्सिपलीन मंत्र्याचें स्वागत केलें. तिणें ताका मानान कदेलार बसोवन घेतलो. हो मान वयल्या वयलो आसलो.

"मदर, हांव रावूं काय वचूं?"

‘‘तुका जाय तशें.’’

‘‘सर, हांव वतां. क्लासांत टिचर ना न्हय? म्हजी गरज पडल्यार आपोवन घेयात.’’ एक व्ही.आय.पी. उलयता तशी टिचर पीपी उलोवन भायर गेली.

‘‘सिस्टर, हांव तुकोडे इल्लोसो फावोर मागच्या येयिलां. मुक दिसोता तूं मुगे काम केल बोगोर केशी रावपा ना.’’ प्रिन्सिपलीकडेन इंग्लीश मारल्यार आपूण शेणटलों म्हणून मंत्र्यान कोंकानीचो आदार घेतलो. आपूण येवपाचें कारण सांगचे पयलीं ताणें, ‘‘सिस्टेर केशी आहा.’’ म्हणपाक तो विसरलो ना.

‘‘सिस्टेर, टिचेर पीपीन कितें सांगिलां तुका? ती आमगे मुनीस आं, ती सांगोता तेशें जाच्या जायें.’’ प्रिन्सिपलीन तोंड उक्तें करूंक नासलें. मंत्री उलयतालो आनी प्रिन्सिपल आपल्या मुखामळार कसलोच भाव दाखयनासतना, निर्विकार चेऱ्यान मंत्र्याक नियाळटाली. मात तिच्या मनार कसलेंच चेंपण नासलें. तरी ताका ती जाप दिवपाचें टाळूंक शकनासली. आपल्या इस्कोलांत एक मंत्री आयला. मंत्री कसलो, एका पिकाळ वाठाराची वंय मोडून एक बांगरबैल भितर सरता तसो कोणाचीच मान्यताय घे नासतना भितर घुशिल्लो एक मस्तो सत्ताधारी आशिल्लो तो. ताचो स्कुला कडेन कसलोच संबंद नासलो. आपूण अमक्याच कामाक लागून तुमच्या स्कुलांत अमूक वेळार येतां, अशी चिटूय बरोवंक नाशिल्ली ताणें. एका भुरग्याचो गांवगिरो पालक जाल्लो जाल्यार प्रिन्सिपल समजून घेतली आशिल्ली. पूण हो तर एका राज्याचो सत्ताधारी मंत्री आसलो. हाचे कडेन प्रिन्सिपल कशी वागतली?

‘‘हें पोय मिस्टर!’’

‘‘मिस्टर न्होय, मिनीस्टर!’’

‘‘जावं कोणूंय. ताचें माहां पोडलेलें ना! टिचर पीपी आडमार्गान एका भुरग्याक पास करूंक सोदता. हांव तोहें कोरूंक तोयार ना देखून ती मोंत्र्याक कागाळ कोत्ता. आनी मोंत्री हिंगा धावोन येता, हें सारकें? हायें

ह्या इस्कोलांत कायद्या भायलें काम केन्नाच कोरूंक ना. आनी हे फुडेंय केन्नाच कोच्ची ना.'' प्रिन्सिपलीन आपलो निश्चेव उलोवन दाखयलो.

''सिस्टेर, तूं कायद्या भास मुकोडे उलोंयच्या वोस नाका. आमी आसेंबलींत कायदे कोत्ताय लोकां हातीर. लोकां बोरें कोच्याक. लोकां बोऱ्याक तुमी तो मोडाय आनी वोगो बोसाय. तुमकां कोण इचात्ता? कोणें इचाल्ल्यार आमकोडें योयाय न्हो? आमी चोयताय कोण कितें कोत्ता पोडे तें.''

सिस्टर प्रिस्का खरी किरिस्तावीण आसली. खरो किरिस्तांव देवाचो आदेश मानता. ताच्या मुखार केदोय व्हडलो मंत्री उबो रावन शाणेपणा सांगूंक रावलो तर ताचें ताका कोंत आसना. तो दसून रावता फकत सताक.

मंत्री एक सारको उलयत आसलो. प्रिन्सिपल ताचें सगळें मोन्यानी आयकताली. शांतकायेची दूत ती, आनी कितें करतली? तिणें चिंतलें, मंत्री कितलो बडबडटा तितलो बडबडुंदी. पुरो जातकच शांत पडटलो.

आनी जालेंय तशेंच. आपल्या उलोवण्याचो प्रिन्सिपलीचेर कांयच परिणाम जायना तें पळोवन मंत्र्यान गाडयेक ब्रेक मारता ते भशेन आपली बडबड मदेंच थांबयली.

''सिस्टेर तूं मुगें आयकोन झेयना.''

''तुजें उतरान उतोर आयकोन जेहलें. आतां तुज्यान वोसों येता. तुमी व्हडले मुनीस. जायतीं कामां आहाय.'' प्रिन्सिपलीन थंडसाणेन जाप दिली.

''माजीर वोचपा म्हुण्टा, आनको मुगे कामा कितें कोत्ता?''

''तोहलें काम मुजलागीं जावचें ना. उपकार कोन्न वांकडें काम कोरूं लावं नाहां माहां!'' प्रिन्सिपलीन हात जोडून मंत्र्याकडेन मागलें.

''येशें म्हुण्टा? तेस जाल्यार हांव कितें सांगोता तें आयक. तूं ह्या इस्क्लां कितू तेप रावतो तें हांव चोयतां.''

मंत्र्यालो टेंपरेचर वाडलो. ताका कळ्ळें, आतां आपलीं शाणेपणां

कशींच चलपा ना. तो सट्ट करून कदेलावेलो उठलो. कदेल फाटी धुकलून मेकळे सुवातेर वचून उबो रावलो. दोळे मोटे आनी वाळू वाकडी करून, ओंट हालयत ताणें प्रिन्सिपलीकडे रागान पळेलें. मंत्र्याचो हो राग अशें सुचयतालो, की प्रिन्सिपलीची आतां ह्या फुडें धडगत ना.

दाराकडेन पावमेरेन मंत्र्यान प्रिन्सिपलीकडे रागान कोरें करून पळेलें. प्रिन्सीपल मात शांत आनी निर्विकार.

मंत्री कॅबिना भायर सरलो. प्रिन्सिपल मात शांतपणान आपले सुवातेर केदो वेळ तशीच बसून रावली.

एका मंत्र्याचो अपमान! व्हड अपमान!! कितें समजता ही प्रिन्सिपल स्वताच्या जिवाक? राज्याच्या येद्या व्हडल्या मंत्र्याचें कुस्कुटभर काम करूंक जायना? आनी कोणूय जाल्लो जाल्यार मंत्र्याची मागणी पुराय करपाक धांवून ताच्या पांयांकडेन वचपाचो. मंत्र्याचें काम करून आपल्याक जाय तें मागून घेवपाचो. हे भशेन मंत्री सरकारी सेवकां कडच्यान जाय तीं कामां करून घेतात. सेवक कायद्याचेर बोट दवरतात तेन्ना मंत्री सेवकांक सांगतात, कितेंय कर, पूण काम जावंच्याक जाय म्हणचे जावंच्याक जाय. मागीर हुशार सेवक पळवाटो सोदून काडटात आनी मंत्री सांगता तें काम करून मेकळे जातात आनी ही प्रिन्सिपल एका मंत्र्या मुखार इतली कडक रावता? मंत्र्याच्यान ही गजाल कशीच सोसूंक जाली ना. ताणें प्रिन्सिपलीक लिसांव शिकवपाचो निश्चेव केलो.

मंत्री येवन गेलो आनी इस्कोलांतल्या चडशा टिचरींक एकमेकांच्या कानाक लागपाची संद मेळ्ळी. चडशो म्हणपाक कारण अशें की त्या इस्कोलांत कांय टिचरी बऱ्या देखीच्योय आसल्यो. आपलें काम बरें आपूण बरी, म्हूण काम करपी थोड्यो तरी टिचरी आशिल्ल्यो म्हणून त्या स्कुलाक नांव आसलें.

तशें कितेंच घडले बगर मंत्री स्कुलांत येवचो ना, अशें शिक्षिकांक दिसतालें. कारण सोदून काडल्या बगर कांय टिचरींक तर न्हीद लागऽ सारकी नासली. तरी हे विशीं स्टाफरूमांत बशिल्ले कडेन उलोवप शक्य

नासलें. कारण टिचरां मदीं माद्रीय आसल्यो. कांय माद्री प्रिन्सिपलीचेर कोंत्र आशिल्ल्यो तरी एकदोन तिचेर बऱ्योय आसल्यो. ताका लागून प्रिन्सिपलीविशीं बरें-वायट उलोवपाचें धाडस कोणाकच जाय नासलें.

तरी लिपून-चोरून कितेंय उलयतलीं जाल्यार प्रयोगशाळा आशिल्लीच. प्रयोग चलतात तेन्नाच भुरगीं गर्दी करून आसतालीं थंय. प्रयोगशाळेचो ताबो आसतालो एके माद्रीकडेन. मात ही माद्र जातीन चाड्डी आनी प्रिन्सिपल खारवीण तेन्ना दोगांचेंय कशेंच पटनाशिल्लें. हे चाड्डेचें आनी टिचर पीपीचें बरें जमतालें. मागीर तांकां टिचर सिल्विया खंयच्च्याय वेळार येवन मेळटाली.

टिचर पीपी बामीण, प्रयोगशाळावाली माद्र चाड्डी! टिचर सिल्विया मात आपली जात कोणाक दाखोवन दिनासली. मात ह्या त्रिकुटाचीं कर्मां एक आसलीं. सैतान तांच्या तकल्यांनीं केन्नाय भितर सरून राशींनी पिलां काडटाले. हे सैतान केन्ना आपली तकली वयर काडीत आनी केन्ना कोणाचे फाटीक लागून तांकां रेबकोंडांत धुकलून दीत, ताचो नेम नासलो.

खरें म्हळ्यार आश्रमांतल्यो माद्री म्हणचे देवदूत, देवाचें राज्य चलोवपाचें काम तांचें. चडांत चड माद्री, देवान आपल्याचेर सोंपयल्लें काम उत्तम रितीन करताय बी. पूण कांय मनशां अशीं आसतात की तांकां कितलेंय धर्मशिक्षण दी ना तर नितीमत्तेचे धडे दी, तीं आपलें तें सोडपाक कशींच तयार नासतात.

शाळेंतल्या लॅबांतली माद्र कॉन्वेंटच्या माद्रींची वांगडी आशिल्ल्यान ती थंयच्च्या माद्रींच्या एका गटाची फुडारी आसली. अर्थात हो गट सिस्टर प्रिन्सिपलीच्या आड वावुरतालो.

माद्री सोडून हेर टिचरींचोय एक वेगळो गट आशिल्लो. हो गट टिचर पीपीच्या फुडारपणा खाला वावुरतालो.

टिचर सिल्वियाचो मात खाशेलो असो गट नाशिल्लो. गरज पडल्यार ती कोणाल्याय गटांत घुसताली. तो मागीर पीपीचो गट जावं ना

तर चाड्डे माद्रीचो. ते पासत ती सगळ्या गटांक आपलीशीच दिसताली.

हे माद्रीक मुजरत चाड्डी म्हणची पडटा, कारण ती आपल्या चाड्डेपणाचो अभिमान बाळगून आशिल्ली.

प्रयोग शाळेंत आयज प्रयोग नाशिल्ले. लॅब आसिस्टंट एकटीच बसून मुसकां मारताली. इतल्यान टिचर सिल्विया भितर सरली.

‘‘हाय!’’

‘‘हाय सिल्विया!’’

‘‘सिस्टर एकटीच आहा तूं इंगा? माहां दिसलें टिचर पीपी बी आसतोली.’’

‘‘हांवूंय तियेचीच वाट पोडेतां. ही पोय येयली.’’

टिचर पीपी फाटल्यान पळेत-पळेत, भियेत-भियेत येवन आपल्या वांगड्यां म्हऱ्यांत येवन बसली. खरें म्हणल्यार हें त्रिकूट सोडून लेबोरेटरींत सप-सप करून कोण ये नासलो. तरी चोरा मनांत चान्ने आसता. टिचर पीपी सदांच हेवटे-तेवटे पळोवन, आपलो वांकडो तिकडो कारबार करताली. आतांय ती खरशेत-खरशेत आपल्या वांगड्यांक सोदीत लेबोरेटरींत आयिल्ली. पीपीक वांगड्यांकडेन उलोवंक आतां चड वेळ नाशिल्लो. ती सांजवेळां सातांक मंत्र्याकडेन वचपाची आसली. मंत्र्यान तिका ॲपोयंटमेंट दिल्लो. आनी वांगडा तेंक्याक कांय मनशांक हाडपाचो सल्लोय ताणें दिल्लो.

‘‘टिचर सिल्विया, म्हाकां तुमकां खूब कितें सांगपाचें आसा. पूण आतां न्हय. तुमी सांजेचीं चारांक म्हगेर येयात. थंयच्यान आमकां मंत्र्या म्हऱ्यांत वचपाचें आसा. वच्चे पयलीं म्हज्या घराकडेन बसून सवकासायेन आनी चिंतून मंत्र्या मुखार कितें उलोवपाचें तें थारावन या.’’

टिचर पीपी आपल्याक मंत्र्याकडेन घेवन वता, हे जाणविकायेनच सिस्टर लॅब फुलली. वर्सान वर्स गोंयच्या सायबा भेटेक वचून येवपी टिचर सिल्वियाक तर आयज पयलेच खेप कॅबिनांत वचून मंत्र्याची भेट घेवपाची संद आयतीच मेळिल्ली. एकदां मंत्र्याची वळख जातकीर, मागीर

आपूण टिचर पीपीक कुशीक दवरून, तिची सुवात आपूण घेतली. मागीर पीपीच्या पोक्या झेतांक कोण वालोर दिता तें हांव पळेतां, अशे विचार सिल्वियाच्या मनांत घोळूंक लागले. पूण बोट दाखयल्यार हात गिळूंक सोदपी टिचर सिल्वियाक खंय खबर आसली, की टिचर पीपी बारा बांयचे उदक पिवन फुडें आयल्या ती!

सिस्टर लॅब सुर्वेक फुलिल्ली खरी, पूण मागीर तिका आपलें आंग फाटीं घेवचें पडलें. आपूण मंत्र्याची भेट घेवपाक पंगडांत आसां, आनी आपल्या मुखेलीचे मान्यताये बगर आपल्याक हांगा-थंय भोंवपाक मेळना हाची जाणविकाय तिका उपरांत जाली. तरी टिचर पीपीन तिका खूब समजावपाचो येत्न केलो. तिच्या आड वचपाचें धाडस कोणें केलेंच जाल्यार ताका मंत्र्याकडसून ख्यास्त भोगोवपाचें उतरय दिलें. एक गजाल मात सिस्टर पीपीक सांगूंक अनमनली ना. ती म्हणल्यार टिचर पीपीक आपलो पुराय तेंको आसा म्हणपाचो.

टिचर सिल्विया सांजेच्या चारांकूच नटून थटून टिचर पीपीच्या घरा गेली. आयज तिचो ड्रेस खंयच्याय दादल्याक भुलोवपी असलोच आसलो. टिचर सिल्विया चाळीशींत आसली तरी तिणें केल्ल्या मेकपान ती तिशींतली तरनाटी दिसताली. दिसा उजवाडान तर ती तियात्रांतली, माचयेर चलता-भोंवता तसली हिरोयीण दिसताली. सदां परस ओंठांक चडच लिपस्टीक थापून ते तांबडे गूंज केल्ले तिणें. दोळ्यां पापण्यां वयर-खाला निळसाण फांशिल्ली. सिनेमा नटयांभशेन कानफुलां घालून कान सोबयल्ले.

भेसाचे बाबतींत टिचरांनी सदांच सभ्यतायेन वागचें अशी समाजाची अपेक्षा! पूण टिचर सिल्वियाक मात हो नेम मानचो सो दिसनाशिल्लो.

तिणें चमक्यांचो टायट स्कर्ट चडयल्लो. स्कर्टाची देग धोंपरापसून बरीच वयर आसली. हें तिणें मंत्र्याची नदर पडची म्हूण मुजरत केल्लें. आपल्या कमरा सकयलो फाटलो वांटो दादल्यांच्या दोळ्यांत भरचो म्हूण स्कर्टाची रचणाय ते भशेन केल्ली. काजरांक-बिजरांक वचपा खातीर

राखून दवरिल्ल्या मोच्यांचो उपेग तिणें आतां मंत्र्या भेटेक वचूंक केल्लो. आपल्यो वालोराच्यो वस्ती वापरून मंत्र्यामुखार शो मारपाची संद टिचर सिल्विया कशी चुकयत? टुकटुक्या पांयतणांच्या तालार कमरे खालचो फाटलो भाग कसो हालता तो फाटीफुडें सरकून पळोवन घेतलो.

टिचर सिल्विया ज्यानोत न्हेसून आयल्या. मागीर टिचर पीपी कशाकशीय कशी वतली? मंत्र्याकडेन तिची वळख आसली म्हूण कितें जालें? तिचीं सगळीं कामां जातालीं तीं भावा वळखीन. आयज मात ती आपल्या भावाक कुशीक दवरून मंत्र्या म्हऱ्यांत वचूंक फुडें सरिल्ली. येदो व्हडलो मंत्री तो ! तिका आतां ताचेकडेन उलोवचें पडटलें. ताणें विचारिल्ल्या प्रस्नाच्यो जापो तिका दिवच्यो पडटल्यो. कितलीय जाल्यार टिचर ती! आपूण एक शिकिल्ली, हुशार आनी देशेंत बायल म्हूण मंत्र्याक इंप्रेस करूं नाका?

पीपीन सगळ्यांत उंची साडी भायर काडली. आपल्याक जाय आनी सोबता तशें मेकप केलें. पेटलांतलीं भांगरांशिंगरां भायर काडलीं. खरीं-खोटीं जावं तीं मागीर! सगळीं आंगार चडयलीं. गणसाबैल जावन जात्रेक बित्रेक वता तशी सरली भायर मंत्र्या भेटेक वचूंक.

दोगीय इश्टिणी एकमेकांक पळोवन खूश! दोगीय आपापल्याक सुंदऱ्यो समजताल्यो. एक हिन्दू आनी दुसरी किरिस्तांव. भेसांत वेगळेंपण. पीपी वांगडा येमू आशिल्लें जाल्यार मात इल्लें कुसमुसांव जावपाचें. जळटलीं आसलीं भितरले भितर एकमेकाचेर! बायलांचो सोबाव तो.

"सेराकोडे कितें आनी कोहें उलोवपाचें तें चिंतलां मुगो पीपी, मोकोडे जाल्यार कांय जावपा ना आं! आदीं सांगोन दवत्तां." मिनी पर्सींतल्या बोटभर आंगशान सिल्वियान आपले ओंठ चेपले.

"कोण सेर गो?"

"मोंत्री आनी कोण?"

"तूं झेतार न्हेसलां तितलें पुरो गो. तूं म्हज्या म्हऱ्यांत फकत बसपाचें काम कर. तो तुका पळेतलो आनी हांव ताका पळेतां."

खरें म्हणल्यार मंत्र्याक चिंतून उलोवपाचें काम केन्नाच जमनासलें. तोड-फोड करून जैत मेळोवपी मंत्री तो. लोक ताका वेंचून दिताले, तो बरो मनीस म्हूण न्हय. तरणाट्यांक सोरो-मांस खावोवन आनी गरीब म्हाताऱ्या कोंताऱ्यांच्या हातार पांचवीं नोटां दवरून आनी बऱ्यांक धमक्यो दिवन प्रत्येक वेंचणुकेक वेंचून येवपी मंत्री तो. शिकपाकडेन तर भुरगेपणा सावन कोंत्रसाण. तरी इंग्लीश तिसरी-चोवथी शिकून, खूब वर्सां मंत्री-आमदार म्हूण राजकारणांत वावरून एस्-फॅस करचेंच पडटालें ताका. शिकिल्ल्या मनशांकडेन तो कोंकणीचो मोग दाखयतालो आनी अशिक्षीत-अनाड्यांमदें इंग्लीश जेंटलमॅन जावन कसो भोंवचो, हें तो बेस बरें जाणा आसलो.

दोगूय इश्टीणी आतां मंत्र्या दरबारांत पावल्यो, कार्यकर्त्यांनी दरबार खचाखच भरिल्लो. मात मंत्र्याचे दोळे पीपीचे वाटेकडेन लागिल्ले. टिचर पीपी येतली केन्ना आनी इस्कोलाचे प्रिन्सिपली आड कारस्थान रचतलों केन्ना अशें जाल्लें त्या मंत्र्याक. आतां टिचर पीपीचेर नदर पडना फुडें ताचें धगधगतें काळीज शांत जालें.

ताणें दरबाऱ्यांक घरा वचपाची खूण केली आनी कळाव करिनासतना त्रिकुटान फुडल्या राटावळीं खातीर बसका घेतली.

:२०:

'यथा राजा तथा प्रजा' अशी आदले तेंपार एक म्हणणी घोळटाली लोकांच्या तोंडांतल्यान. आयज काळ बदलला. लोकूय बदलला. लोकांतल्या तोंडांतली भासूय बदल्ल्या. 'यथा राजा तथा प्रजा' म्हणपाचे सुवातेर आतां 'यथा प्रजा तथा राजा' म्हणपाचे दीस आयल्यात. प्रजा जर सुशिक्षीत आनी शाणी आशिल्ली, तर हे म्हणणेक अर्थ आसतलो आसलो. राज्यांतली लोकशाय फुलतली आसली. प्रजेचो राजाक-लोकप्रतिनिधीक-भंय दिसतलो आसलो. सुशिक्षीत प्रजेचें प्रतिनिधीत्व करपाक सुसंस्कृत आनी बरे देखीचे विचारवंत फुडें येतले

आशिल्ले. तांच्या मुखार नारायण भेंडो, टिचर पीपी ह्या सारक्या देड दमडेच्या मनशांक थारो आसचो नासलो.

आयज आमच्या राज्यांत बरे तरेन राज्य करून दाखोवपी सुशिक्षीत आनी सुसंस्कृत नागरिकांचो आंकडो साप्प ल्हान ना. पूण ते फुडें येनांत. कारण हांगाचे 'आम लोक' दिसान दीस बोंडे जावनूच रावंक सोदतात. जांकां खऱ्या-खोट्याची पारख ना, ते बऱ्यां लागसाराक कशे वतले? देवचाराक सोडून देवाकडेन कशे पावतले? कोणाकूय देवाकडेन वचनच-शें दिसलें, आनी वतासतना वाटेर देंवचार भेटलो आनी ताणें देवभक्ताक दिसा उजवाडाक खयीं व्हरून लिपयलो जाल्यार?

टिचर पीपीलो मंत्रीय एके तरेचो देंवचारूच आसलो. ताचे आड कोणूय गेलो जाल्यार ताची मागीर धडगत नासताली. टिचर पीपीक हाची पुराय खबर आसली. ताकाच लागून तिणें येदे व्हडले संस्थेचे मुखेलीक त्या अक्कलशुन्य मंत्र्याचे गवणेंत बांदपाचो यत्न चलयल्लो.

कांय सत्ताधारी जंगलांतल्या वागां भशेन आसतात. वागांचे तुळेन कोले बुद्दीन तीख आसतात, अशें म्हणटात. टिचर पीपीलो मंत्री वागाभशेन, तर टिचर पीपी कोली जावन वावुरताली समाजांत.

टिचर पीपी जेन्ना प्रिन्सिपलीची कागाळ घेवन मंत्र्याकडेन गेल्ली तेन्ना मंत्र्याक फुडें करून आपुणूच ती केस हातांत घेतली म्हूण आसली. मंत्र्याक कांयच कळना, तो 'होयबा', तो भोजो, तेन्ना प्रिन्सिपलीक इस्कोलांतल्यान भायर मारपाचें काम मंत्र्याच्या नांवान आपल्याकूच करचें पडटलें, हाची पुराय कल्पना तिका आशिल्ली. आपूण जी कितें येवजण करतां, ती भायर मारप मंत्र्याक कशेंच शक्य जावचें ना, हेंय टिचर पीपी जाणा आशिल्ली. ताका लागून येवजण टिचर पीपीली आनी येवजणे प्रमाण घेतिल्ल्या निर्णयाक मान्यताय मंत्र्याली, हें आदींच पक्कें जाल्लें.

स्कुलांतल्या प्रिन्सिपली म्हऱ्यांत, बैला भशेन खुबळिल्लो मंत्री आतां घरा पावता म्हणसर खूब शांत जाल्लो. ताका शांत आनी प्रसन्न करपाचें काम ताच्या सामकाराक बशिल्ल्या दोगांय बायलांनी- पीपीन

आनी सिल्वियान केलें. कांय दादल्यांचो रागापारो कितलोय वयर चडून रावलो तरी तो खास बायलांचेर नदर पडटकीर उतरता. पीपील्या मंत्र्यालेंय तशेंच घडलें जावंये! सामकाराक बशिल्ल्या गांवटी हिरोयिणींक पळोवन मंत्री खिणांत सगळें विसरून गेलो. तरी ताका आपलें व्हडपण दाखोवपा खातीर कितेंय तरी उलोवंकूच जाय आसलें. पूण कितें उलोवचें तें कळनाशिल्लें. ताकाय कारण आशिल्लें. मंत्र्याची नदर सामकारा ओंठ तांबडे करून बशिल्ले टिचर सिल्वियाचेर पडली. सिल्वियाकूय तें जाय आशिल्लें. दोगांच्योय नदरो खिणांत एकामेकाचेर थीर जाल्यो.

मंत्री बायलांचे बाबतींत मातसो सैल आसा, ही गजाल पीपीक खबर आशिल्ली. तिच्या भावान–नारायण भेण्यान–खूब वेळां तिखट–मीठ लावन तिका ती सांगिल्ली. टिचर सिल्वियाकूय तो दोळो मारून आपल्या जाळ्यांत ओडूंक शकतालो. तशें घडलें जाल्यार टिचर पीपीक कांय लुकसान जाय सारकें नासलें. फुडें तीं कितेंय करूं पूण सद्या पीपी ज्या उद्‌देशान मंत्र्या म्हर्‍यांत आयिल्ली, तो उद्देश साध्य जावपाची चड गरज आशिल्ली. ताका लागून तिणें मुमुरख्यांनी हांसून ताळो खांकारलो. दोगांय भानार आयलीं. टिचर पीपीन कळाव लायनासतना विशयाक हात घालो–

“सर, आतां कितें करपाचें?” टिचर पीपीन नमळायेन मंत्र्याक प्रस्न केलो.

“कोणागेलो?” मंत्र्यान न्हिदेंतल्यान जाप दिल्ले भशेन दिली.

“स्कुलाचे प्रिन्सीपलीचें सर! ती प्रिन्सीपल आमच्या भुरग्यांक नापास करता. ताचेर विचार करूंक आमी हांगा जमल्यांत सर!”

“तुगे प्रिन्सिपालीक माजीर चोवया. मूक येक सांगो, ही माडाम कोण?”

“ही माडाम सिल्विया. आमच्या स्कुलांत शिकयता.” पीपीन उबगून जाप दिली.

“येशें, हे आदीं हियेक केदना चोयलो ना हायें.”

“ती आमची पार्टी वर्कर न्हय सर. तुमकां कशी दिसतली?”

“येशें? तेश जाल्यार व्हॉकोल जाच्या जायना?” मंत्री आबूज जाल्ल्या भशेन जालो.

“हांवें व्हंकल म्हणुना सर, वर्कर म्हणलां.”

“हावूंय तेंच म्हुंटा. तूं हियेक हाल्यां म्हुगे आफसांत धाडी. हांव हिका मुगे पार्टे व्होर्कोर कोत्तां. सोमजिलें?” मंत्र्यान टिचर सिल्वियाच्या मताचो विचार करिनासतना ऑर्डर सोडली. मंत्र्याल्या मनांत कितें शिजता तें ना कळपाक टिचर पीपी तितली पिशी नासली. प्रिन्सिपलीचें प्रकरण पीपीच्या गळ्याकडेन पावूंक नासलें जाल्यार ती मंत्र्याचो आनी सिल्वियाचो एकवोट घडोवन हाडपाक, कळाव लायनासतना मुजरत वांटो घेतली आसली. मंत्र्याचो आनी टिचर सिल्वियाचो मोग चालीक लागून तो वाडीक लागल्यार तो टिचर पीपीक लुकसानाक पडचो नासलो. पूण आयज तिका कोणाय भशेन मंत्र्याच्या तेंक्यान सिस्टर प्रिन्सिपलीक सासणाची मोव करून सोडूंक जाय आसली. लोखंड तापिल्लें आसतनाच ताचेर धपटे घाल्यार तें मोव जाता, हाची पुराय कल्पना टिचर पीपीक आशिल्ली. तिणें मंत्र्याक आपल्या कामाची याद करून दिली–

“सर, मॅडम सिल्विया म्हजी फ्रेंड. ती आमकां केन्नाय मेळूंक शकता. ती व्हडा उमेदीन तुमचें काम करतली. पूण सर, आमी ज्या कामा खातीर एकठांय जाल्यांत, तें पयलीं जाग्यार घालुया आनी उपरांत तुमचें हें काम नेटान चालीक लावया.” टिचर पीपीक कोण लागिल्ल्यावरी ती उलयली.

“कामो, केसो कामो!” मंत्री न्हिदेंतल्यान अकस्मात जागो जाल्ल्या वरी उलयलो.

“देवा म्हज्या, सर सगळें विसरले. स्कुलाची प्रिन्सिपल सर–सिस्टर प्रिस्का–तिणें आमच्या भुरग्याक पास करपाक न्हयकार दिलो. तिचें आतां फुडें कितें करपाचें सर?”

“व्होय–व्होय! ते प्रिन्सिपालीक लिसांव शिकोवच्याकूच जायें.

ना जाल्यार हाल्यां ती आमच्या माथ्यार बैसोची ना? ही मॅडाम कित म्हुंटा?'' मंत्र्यान टिचर पीपीच्या उलोवण्यांक चड म्हत्व दिनासतनां सिल्वियाकडेन बोट दाखोवन प्रस्न केलो.

टिचर पीपीक मंत्र्याली गजाल मानवलीना. आपल्याक सोडून सिल्वियाक तो चड म्हत्व दिता ही गजाल तिच्या लक्षांत आयली. तरी गरजवंताक अक्कल ना म्हूण ती सिल्वियाचे बाबतींत कांयच उलयली ना. तरी आपल्या कामा पुरतें ती उलयलीच–

''सर, मॅडम सिल्वियाक आमचे भितरली गजाल कांयच खबर ना. ती आयल्या ती फकत आमकां तेंको दिवपाक. प्रिन्सिपलीचें कितें करचें तें आमकांच आदीं थारोवचें पडटलें.'' टिचर पीपीन आपल्या मनांतलें सांगून मेकळें केलें.

''येशें म्हुंटा? तेशें जाल्यार तूं चिंत आनी म्हूक सांग कित कोच्च्या जाय पोडे तें! ती इस्क्लां उरल्यार आमगे कामां केशीं जावपा ना. ती आपूण देवागे मनीस म्हूण सोतान चोलों सोदिता. माद्री गे सोतां आमच्या येसोल्या मिनिस्टोरां कोंता येवपा आहा? ओहल्यांक कदला वोयल्यान भायर मारच्या जाय. कीत म्हुंटा मॅडाम...'' मंत्र्यान प्रस्नार्थक नदरेन मॅडम सिल्वियाकडेन पळयलें.

''येस सेर, यू आर रायट सेर.'' मॅडम सिल्वियाले इंग्लीशीन मंत्र्याक आनीकूय इल्लो नेट आयलो.

''मॅडम पीपी, तूं येश कोरी, म्हुगे येडवायस घेच्या भानगोडी पोडनाका. तूं हाल्यां इस्क्ला वोच आनी तुक जाय तें कोर. पुलिसेन कितें कोच्याक जाय तें हांव सांगितां. आनी हें चोय, म्हुजकोडे खाशेले येशे मुनीस आहाय. तुका तितुंतुले दोगो पुरो. तुये तेहां फोकोत ऑर्डोर दिवपाची. तोड–फोड, मार–फार कोच्याक एकदम हुशार! कोणें कित केलां, कोणा होबोर लागपा ना.

आनको एक आयडिया सांगोत तुकां. कित कोरपा जाणा मुगो, गेलो वर्सा हेल जालोल्या सोगल्या भुरग्यांक एकठांय कोरपाचीं. हे वोर्सा

सोगल्यांक पास कोराय म्हूण प्रिन्सिपाली घेराव घालपाचो. कोन्ना मुहल्यार इस्क्ला हारसे फोडपाचे, बांक मोडपाचे. कोणा भिवपा ना. मुगे नांव मात कोणा सामकारा घेवपा ना. सोमजिलें?''

टिचर पीपी आतां कितें समजूंक जाय तें समजली. तिका आतां रान मेकळें जाल्लें. आपणें आतां स्कुलांत वचून कितलोय शिगमो खेळ्ळो जाल्यार कोण्णाक भिवपाची गरज ना हें आतां तिका कळून आयिल्लें. तरी ती राजकारणी आशिल्ली. तिच्या फाटल्यान मंत्र्याची ताकत आशिल्ली खरी, पूण तिचो उपेग ती उकतेपणान करूंक फाटीं सरताली. कारण तिच्या मनांत काळें आशिल्लें, मनांतलें काळें लिपोवन, तोंडार अडेचें हाशें दाखोवन थोडे दीस तरी स्कुलांत वावुरपाचें तिणें थारायलें.

टिचर पीपी मंत्र्याची भेट घेवन आयली. पूण रातीकडेन तिका न्हीद पडलिना. सुखान न्हीद पडटली जाल्यार मन निर्मळ आसचें पडटा. टिचर पीपी तर विखाची कुपी. आपलो सुवार्थ सादोवपा खातीर एका नावास्त्या स्कुलाचे मुखेलीचीं मुळां खणून तीं ती उकत्या मळार मोखून मारूंक पळेताली. इल्ल्याशा भुरग्यांची राखण करपा खातीर स्कुलांतल्या शेंकड्यांनी भुरग्यांचो फुडार ती मातये भरवण करपाक वावुरताली.

आयज टिचर पीपी सदांचे भशेन स्कुलांत येवन असेंब्लीक उबी रावली. आयज तिचें मुखामळ इल्लें चडून फुलिल्लें दिसलें. असेंब्लींतलीं सगळीं भुरगीं तिका अजापान पळेतालीं. कारण इतलो उजवाड तिच्या चेऱ्यार तांणी हे आदीं केन्नाच पळोवंक नासलो. आपलें कसलेंय काम सारकें जालें ना जाल्यार ती भितरले भितर जळफळटाली. तिच्या मना सारकें घडलें तरी ती आपली खोशी लिपोवन वावुरताली. ताका लागून आयजचें तिच्या तोंडावेलें हांशें पळेतल्यांक विचित्रशें दिसतालें. तिच्या त्या नकली हांशांत कसल्या तरी कारास्थानाचो दुबाव मारतालो. ''गूड मोर्निंग सिस्टर!'' टिचर पीपीन मुजरत तिच्या म्हऱ्यांत वचून तिका 'व्हीश' केलें.

''गूड मॉर्निंग!'' प्रिन्सिपलीन टिचर पीपीचो आवाज वळखलो.

ताका लागून टिचर पीपीचो नकली चेरो फुकट गेलो. प्रिन्सिपलीक दाखोवपाक तयार केल्लो तिणें तो ! प्रिन्सिपलीन टिचर पीपीच्या चेऱ्यार नदर मारली ना खरी, पूण तिच्या आवाजांतलें वीख मात तिच्या लक्षांत आयलें. टिचर पीपीन ह्या फुडें कितलेंय बरें वागपाचें नाटक केलें तरी आपल्या विशींचो तिचो द्वेश केन्नाच उणो जावंचेलो ना, हाची पक्की खात्री प्रिन्सिपलीक जाल्ली.

मंत्री येवन गेल्या उपरांत तर प्रिन्सीपल चडूच शादूर जाल्ली. टिचर पीपीक लागीं करप धोक्याचें आसा. सोरपाक कितलेंय दूद पिवयलें जाल्यार तो वीख ओंकल्या बगर रावचो ना, हें ना कळपा इतली ती पिशी नासली. तेन्ना टिचर पीपी कितें करता तें करूं दी म्हूण प्रिन्सिपलीन तिचो नाद सोडून दिलो.

टिचर पीपीनूय आपलो इरादो आतां बदललो. सिस्टर प्रिन्सिपलीक जर इस्कोलांतल्यान धावंडावन दिवपाचें आसत तर सद्या सगळे प्रस्न कुशीक दवरून, प्रिन्सिपली सयत, स्कुलांतल्या ल्हाना-व्हडांकडेन इश्टागतीन वागपाची गरज आसा, अशें तिच्या लक्षांत आयलें. ताका लागून, ज्या भुरग्यांच्या प्रस्नां वेल्यान ती वादळ उठोवंक सोदताली, तो प्रस्न आतां तिणें कुशीक दवरलो जावंये!

पूण हें सगळें घडलां तें वादळा आदली शांतकाय आसली. बोकड्यांक मानतुकेक दिवचे आदीं ताका पिंजर लावन फुलांनी सजयतात. तेच परी सिस्टर प्रिन्सिपलीक बळीचो बकरो करपा खातीर सुरू केल्लें तें टिचर पीपीचें कारस्थान आशिल्लें, एक नाटक आसलें.

येदे व्हडल्या स्कुलाचे प्रिन्सिपली आड झूज दितली जाल्यार कट-कारस्थाना शिवाय दुसरो पर्याय नाशिल्लो. आनी कट करतली जाल्यार उखल्ली जीब लायली ताळ्याक अशेंय करून चलचें नाशिल्लें. ते पासत भरपूर वेळेची गरज आशिल्ली. कटांत सामील करून घेवपाक फाव तसलीं मनशांय तयार करपाची गरज आशिल्ली. हाका लागून टिचर पीपीन सवकासायेन काम करपाचो निर्णय घेतलो.

टिचर पीपी वांगडा आतां कांय मनशां आशिल्लीं. पूण तीं केन्ना बदलत हाचो नेम नाशिल्लो. तरी आपल्या विस्वासांतल्या मनशांक एकठांय करून तिणें आतां पसूनच तांकां कामांक लायलीं. ह्या मनशांमदें कांय स्टुडंट्स, टिचर सिल्विया सारक्यो टिचरी आनी सिस्टर प्रिन्सिपलीचो मुळांत सावन द्वेश करपी माद्री आसल्यो!

मार्च म्हयनो वर्सुकी परिक्षांच्या बोवाळाचो. हो म्हयनो उजवाडटांच भुरग्यांचेर आनी तांच्या पालकांचेरूय आकांत येता. वर्सभर धुमशेणां घालपी तवनास भुरगीं आवय-बापायच्या दोळ्यांक उदक लावंक नेटान अभ्यासाक बसतात. मात निमणे वेळार अभ्यास केल्ल्या भुरग्यांक आनी तांच्या पालकांकूय आपलीं भुरगीं पास जावपाची खात्री नासता. तिका लागून परिक्षा सोंपता-सोंपता म्हणल्यार पालक टिचरांल्या घराचे हुंबरे झरोवंक लागतात. एकाद्री टिचर वाटेर भेटली जाल्यार पालकाक ती देवी भेटिल्ले वरी दिसता. पालक तिचे फाटीक लागून भुरग्यांक कोणाय भशेन पास कर म्हूण पाराथतात, तांच्यो विनवण्यो करतात. कोण म्हणटा, 'टिचर, आमजेल्या टोनीक मातसो पोय आं! कोसोय कोरून पास कोर तेका! दीस भोर टिवी पोयता.' आनी कोण म्हणटा, 'सोर, आमच्या पेरपेताचेर मातशें शिंतीद दी आं, हेल कोरूं नाहां तेहा. तें हेल जाल्यार, तेजो पाय जितो हातोलो माहां. बोटीर आहा न्हो रे बाबा!'

मागीर टिचरांकडल्यान जापो येतात- 'तुमचीं भुरगीं शिकल्यार पास जातलीं. पेपरांचेर कांयच बरयलें ना जाल्यार आमच्यांनीं कितें करूं येता?'

:२१:

टिचर पीपी ज्या खिणाची वाट पळेताली, तो खीण आतां लागीं पाविल्लो. ह्या खिणा खातीर वर्सभर मोन्यानी वावर केल्लो तिणें! मात ह्या वावराची इल्लीय सुलूस प्रिन्सिपलीक लागूंक दिवंक नाशिल्ली टिचर पीपीन. ताका लागून प्रिन्सिपलीचोय टिचर पीपीवेलो राग बरोचसो उणो जाल्लो. केन्ना नाशिल्ली तितली इश्टागत टिचर पीपीन, आपल्या

वांगड्यां मदें आनी शिकपी भुरग्यांमदेंय निर्माण केल्ली. तिचे खावपाचे आनी दाखोवपाचे दांत वेगळे आसात हें कोणाकूच दाखोवन दिलें ना. तिच्या विस्वासांतल्या वांगड्यांक लेगीत पुराय खबर नाशिल्ली, ती बायल कसले जातीची आसा पळे तें.

तो दीस आसलो एप्रिलाची तेवीस तारीख. रिजल्टाचो दीस तो. गुणपत्रिका पोस्टांतल्यान धाडपाच्यो. माद्रील्या स्कुलाचो निकाल उण्यांत उणो णव्वद टक्के तरी लागताच. कांय वर्गांचो शंबर टक्के लेगीत लागता. हुशार भुरग्यांक निकालाचें मातूय चेपण आसना. तीं परिक्षा जातकीर निकालाची प्रतिक्षा करिनासतना सोयऱ्यां धायऱ्यांगेर सुटयो मनोवपाक वतात. मात निकाला उपरांत स्कुला मुखार बोबो आनी हुयेली मारपाचें काम, वर्सभर अभ्यासाकडेन लक्ष दी नाशिल्ल्यान नापास जाल्लीं भुरगीं आनी तांचे आवय-बापूय करतात. हे कटकटींतल्यान वाचपा खातीर माद्रीलें स्कूल गुणपत्रिका पोस्टांतल्यान धाडटालें. आयजूय स्कुलान तेंच केल्लें.

धां च्या सुमाराक गुणपत्रिकांचो गट्टो पोस्टांत धाडून दिल्या उपरांत सगळ्यो टिचरी आपापल्या घरा गेल्यो. स्कुलांत उरिल्ली ती प्रिन्सिपल आनी नॉनटिचींग स्टाफ.

आयज आरुखें स्कूल रिकामें जाल्ल्या कारणान, स्कुलाचो नॉन टिचींग स्टाफ इगर्जेचे साडेबारांचे घांटीचे प्रतिक्षेंत आसलो. प्रिन्सिपलीच्या सांगण्यान तसोच बेत केल्लो सगल्यांनी!

इतल्यान ढाँव-ढाँव करून इगर्जेची घांट वाजली. प्रिन्सिपल आपले सुवातेवेली उबी जाली. तिणें शांतकायेन देवाचें नामस्मरण केलें. ऑफिसांतल्या कर्मचाऱ्यांनीय तशेंच केलें आनी घडघडीत पर्सी उकलून, आपापलीं बॅगां खांदाक लावन तरतरीत ऑफिसा भायर पडलीं.

हेर दिसांनी स्कूल सुटल्या उपरांत प्रिन्सिपल थोडो वेळ कॅबिनांत बसून उपरांत कान्वेंटांत वताली. आयजूय तिणें तशें केल्लें जाल्यार ते दिसा पुरती तरी ती बरी सुट्टली आसली. पूण ती शांतकायेची मोगी

आशिल्ल्या कारणान, तिचीं पावलां स्कुलबिल्डींग सोडूंक तयार जालीं नात. मात तिचें मन तिका स्कूल बिल्डिंगेच्या व्हरांड्यार घेवन आयलें.

तिणें आतां सरभोंवतणी नदर मारली. बारा वरांचो कड. भायर सुर्या उजो ओंकतालो. आमकारा-सामकारा तीन-तीन मजली स्कूल बिल्डिंगो. एके वटेन नळे-मदेराचो उपेग केल्लो आश्रम. स्कुल बिल्डिंगांच्या माथ्यांचेर पडिल्ल्या वताची खरसाण धर्तरेर पावनासली, तरी धगान मनशाचें आंग हुलपतालेंच. वारें दर्यावेली थंडसाण घेवन येवंनाशिल्लें, तर मात प्रिन्सिपल थंय खिणभर लेगीत तग धरूंक शकची नासली. वाऱ्या वांगडाच, स्कुल बिल्डिंगांच्या कडांनी लायिल्लीं फुलझाडां आपल्या गिन्सां-गिन्सांच्या फुलांक आंगार धोलयतालीं. सुर्याचें भांगराळें वत आख्ख्या वाठाराक सोबाय हाडटालें, तरी ताचो उकोड उणो करपाचें काम सरभोंवतणची पांचवीचार रूखावळ करताली.

देवान मनशां खातीर सगळेकडेन सूख पातळावन दवरलां. तें मनशाच्या अणभवाक केन्ना येत हाचो नेम नासता. सिस्टर प्रिन्सिपलीच्या वांट्याक तो आतां आयिल्लो. स्कूल बिल्डिंगामदें शांतकाय उप्पाट भरून आशिल्ली. तरी हे शांतकायेचो भंग करपाचें काम मस्तो वारो नेटान करतालो. वाऱ्याचीं हीं मस्तेपणां अशींच चालू उरचीं अशें सिस्टर प्रिन्सिपलीक दिसतालें, कारण तिका तीं स्वर्गसूख दितालीं.

हो मस्तो वारो फकत झाडां-पेडांकूच धोशीनासलो. तर तो प्रिन्सिपलील्या धव्या फुल्ल कपड्यांकडेन आपले खेळ खेळटालो. तिचीं वस्त्रां हुबयत, माथ्यावेलो टोप उकलून तिचे केंस धवे आसात काय काळे ते पळोवपाचो यत्न करतालो. सिस्टरीक वाऱ्याचीं हीं मस्तेपणां खूब आवडलीं. वाट मेळटा थंयच्यान भितर सरून बाविल्ली कात ताजी करपाचें काम हो मस्तो वारो करतालो. देखून सिस्टर प्रिन्सिपलीक ती सुवात सोडचीशी दिसली ना. तिका दिसलें, जेवणाक अजून वेळ आसा. तो मेरेने सैमाची ही गिरेस्तकाय दोळ्यांनी साठोवन घेवची.

तरी सूख हें मनशाच्या वांट्याक कायमचें येना. सुखा फाटल्यान

दुख्ख हो नेम आतां प्रिन्सिपलीक लागू पडलोच! चार-पांच पालकांच्या मोट-मोट्यान उलोवण्यान तिका भानार हाडली. हे पालक आपल्या भुरग्यां वांगडा येवन दरवंट्याकडेन घुटमळटाले. दरवंट्यावेलो राखणदार दरवंट्याक कुलूप लावन जेवणाक गेल्लो.

एका पयलीं स्कूल बंद आसा तें पळोवन पालक पिंजळ्ळे. तांकां ताची कल्पना नाशिल्ली. खूबशा पालकांक स्कुलांत कितें चलता ताची खबर आसना. खयीं सय करपाची आसल्यारूच, तीय बी प्रिन्सिपलीन सांगणे धाडल्यार ताणीं स्कुलांत येवपाचें. ना तर भुरगीं आपलीं कितें शिकतात, कशें शिकतात हाची चवकशी करपाक ते टिचरांकडेन येनांत. आयज ते आपलीं भुरगीं दोन-दोन खेप नापास जाल्यांत म्हूण प्रिन्सीपलीक जाप विचारूंक आयिल्ले. तेंय बी आपूण जावन न्हय, तर कोणेंय तांकां भडकायल्यात म्हूण!

''आयज इस्कोल ना, ती तुमहां होबोर नाहली गो?'' एका पालकान आपल्या भुरग्याक विचारलें.

''आहली पाय!''

''येशें जाल्यार, मूक इंगा कित्याक हाडिला?''

''इस्क्लां प्रिन्सिपाल बैसोन आसोता. टिचर पीपीन सांगिलां म्हुका!''

''होय आंकल, माहांय तेशें सांगिलां टिचेरीन.''

''गेट बोंद कोन्न भितोर बैसोल्या? आब्बा!'' अशें म्हणून एका पालकान रागान गेटीचेर खोंट मारली. ते बराबर दरवंट्याचो सण्ण करून मोट्यान आवाज जालो. ह्या आवाजान प्रिन्सिपल दचकली. संकश्टाचो इशारो तिच्या दोळ्यांनी अणभवलो आनी सट्ट करून आपल्या कॅबिनांत वचून बसली.

''ही चोय, प्रिन्सिपाल आहा पाय!'' एक भुरगें मोट्यान आड्डलें.

''चोलाय रे, माराय उडयो गेटी वोयल्यान. गेटीक भायल्यान लॉक लावन भितोर लिपोन बैसोल्या? सामकी चोरां मांय येशी मुरे!'' दुसऱ्या

एका पालकान, तोंड वाकडें-तिकडें करून दांत भायर काडले.

"नाहां आंकोल, आमी हाल्यां येवया. आमगे प्रिन्सिपाल डिसिप्लिनान चोड खोर आहा." दुसऱ्या एका भुरग्यान अणभव उक्तायलो.

"खोऽरोऽ? आब्बा! हांव चोयतां ती कितू खोर आहा ती! चोलाय रे, माराय उडयो, सोराय भितोर." पयले सगले पालक गेटीर चडून, हे वटेनचे ते वटेन गेले. उपरांत एकेक भुरगें भीत-भीत गेटीर चडलें. अशे तरेन सगळीं भुरगीं आपल्या पालकांच्या आदारान भितर देंवलीं. दरवंटो उब्या भाल्यांचो आसलो. वयर चडटा आसतना एका भुरग्याचो हात भाल्यार पडून ताका दुखापत जाली तर दुसऱ्या एकाचो व्हिस्तीद पिंजलो.

भुरगीं आनी पालक बळजबरीन दरवंटो हुपून भितर सरलीं तीं पळोवन प्रिन्सिपल पयलीं मात्सी काचाबूल जाली खरी, पूण मागीर तिणें देवाचें नामस्मरण केलें. ह्या नामस्मरणान तिच्या आंगांत बळगें आयलें. ती भितरल्यान भायर येवन व्हरांड्याचेर नेटान उबी रावली. पालक आपल्या भुरग्यांक घेवन रिजल्टाविशीं जाप विचारपाक आयल्यात, ही गजाल तिच्या लक्षांत येवंक कळाव लागलो ना. ती हात वयर करून आड्डेली.

"थिंगाच थांबाय फुडें येवं नाकाय."

"सिस्टर, आमहां तुजकोडे उलोयच्या जायें." एक पालक रागान ताणशेलो.

"हाल्यां णवांक येवाय. आतां स्कूल बोंद जालें." प्रिन्सिपलीन आपलो आवाज देंवयलो.

"तुमगे इस्कोल एका उपरांत बोंद जाता. आयज इतू ओगसार कित्याको? आमहां होटोयतायी?" एका पालकान आपलें गिन्यान उक्तायलें.

"आयज रिजोल्टा दीस, देखून सोगल्यो टिचरी वेगयां घारा गेल्याय."

“आमहां टिचेऱ्यो नाहांय.. आमहां तूं जाय उलोवच्याक. आमगे भुरग्यां तूं दोन-दोन वर्सां हेल कोत्ता?”

“हांव फेल कोत्तां तुमच्या भुरग्यांक? हांव कित्याक फेल कोत्तेलीं तेंहां? तीं शिकनाय देकून फेल जाल्यांय.” प्रिन्सिपल समजावपाचे भाशेंत उलयली.

“तूं देवा मुनीस जावन इतू फोट मात्ता? तुमगे इस्क्लां गोरिबांलीं भुरगीं तितुंली दोन-दोन, तीन-तीन वर्सां हेल जाताय आनी गिरेस्तांगेलीं पास जाताय. कित्याको? तेंचेकोडल्यान दोनेशनां मेवता देखून? आमहांय कोटाय दोनेशना दिवन भुरग्यांक पास कोन्न घेच्याक! कितू दोनेशन दिच्याक जायें सांग. पूण आमगे भुरग्यांक हे भाशेन हेल कोरूं नाकांय!” आपलें उलोवप हेरांक कशें लागलें, हाचो अदमास घेवपाक ताणें सगळ्यांच्या चेऱ्याचेर नदर मारली.

सिस्टर प्रिन्सिपलीक मात ‘गिरेस्त-डोनेशेन’ हीं उतरां नवीं-नवींशी दिसलीं. असलीं उतरां तिणें हे आदीं खंयच्याच पालकांच्या तोंडांतल्यान आयकूंक नासलीं. खरें म्हळ्यार तें इस्कोल इतलें गिरेस्त आसलें, की डोनेशनां खातीर तोंड फाफुडपाचो प्रस्नच ये नासलो. पूण प्रिन्सिपलीक जाप विचारूंक आयिल्ले हे लोक एका तेंपार गरीब आशिल्ले जावंये. पूण आतांय ते गरीब आशिल्ले जाल्यार आपल्या भुरग्यांक ते गिरेस्त स्कुलांत घालचे नासले. कागाळ घेवन आयिल्ल्यांलीं भुरगीं शिकपांत उणीं आसलीं. पूण दुडू खर्च करूंक गिरेस्तांल्या भुरग्यां परस मातूय फाटीं नासलीं. मात तांचे आवय-बापूय, तांकां जाय तेन्ना सकयल्या पांवड्यार उबे रावन आपल्या उणाकपणाचें दर्शन घडोवन, आपल्याक जाय तेन्ना जाय तें मेळोवपाची माण्णी करतात. हें आदीं सावन कांय लोक करीत आयल्यात. गरिबेंतल्यान कितलेय गिरेस्त जाले, सकयले पावंडे सोडून वयल्या पावंड्यार पावले तरी आपलो सुवार्थ सादोवपा खातीर आदल्याकूच वेंग मारून रावपाची संवय सुटना असल्या लोकांची!

प्रिन्सिपलीच्या आतां लक्षांत आयलें. हे भायल्यान कितलेय देशेंत

दिसले, तरी म्हेळ्या काळजाचे. ते भुरग्यांल्या शिक्षणाच्या मोगान येवंक नात. तशें आसलें जाल्यार फाल्यां येयात म्हणटकूच मोन्यानी वतले आसले ते. ते हांगा कोणाचे तरी सांगणेन किजील करूंक आयल्यात. असल्यांकडेन वाद घालप समा जावचें ना. जेवणाचो वेळ जाल्ल्यान तिणें आश्रमाचे दिकेन पावलां उकललीं.

''आरे, ती चमकोता मुरे!''

''तुमी आतां घारा वोसाय. म्होजो जेवपा वोगोत जालो.''

''आब्बा! तूं जेच्या वोयता आनी आमहां भूक लागलो ना? आमी इंगा बैसोंन रावपाचें? काप्पाज मुरे!'' प्रिन्सिपलीक कोरें करून पळेत मुखेल पालकान म्हणलें, प्रिन्सिपलीक आतां थंय चड वेळ रावपाचो धीर जालोना. झडझडीत पावलां मारून ती फुडें वता तें पळोवन एक पालक मोट्यान आड्डेलो–

''हेय, थांब थिंगा! आमगे प्रोस्न सोडोयल बोगोर तुक आमी केशे सोडपा ना.'' अशें म्हणून पालक प्रिन्सिपली फाटल्यान सडसडीत वचूंक लागलो. ताचो तो अवतार पळोवन प्रिन्सिपलीचें काळीज धडधडूंक लागलें. तरी तिणें चलपाचो नेट उणों केलो ना. ती थांबना तें पळोवन, येदो वेळ मोन्याचें सवंग घेवन उबो आशिल्लो एक धिप्पाड आनी काळो कुळकुळीत दादलो आपल्याचेर भार आयिल्ले वरी साल्तार जालो आनी दोनूय मुठी आवळून, प्रिन्सिपलीच्या फाटल्यान लागलो धावूंक. ती आपले पसून बरीच पयस पावली तें पळोवन, तो मदींच थांबलो आनी आड्डेलो–

''सिस्तेर, थिंगाच थांब. ना तोरी हातोर मान्न होडितां तुगे होड्डो.'' अशें म्हणून तो फाटीं वळून फातोर सोदूंक लागलो. पूण थंय दरवंट्या भितर फातर खंयचे? शेंकरे खंयचे? काडयो–बडयो खंयच्यो! थंय तर एक कागदाचो कुडको लेगीत दिसूंक कठीण आशिल्लो. दिसताले ते स्कूल बिल्डिंगांच्या व्हरांड्याचेर आनी हांगा–थंय मांडून दवरिल्ले सोबीत फुलांचे वाज. तो दोन पांयांचो बळीश्ट रेडो रागान–हांगा–थंय उडयो

मारता त्यो पळोवन वाजांतलीं आनी कुशींतलीं फुलझाडां हाल-धोलनासतना भिरांतेन त्या मनशाचेर आयिल्लो सांवार पळेत रावलीं. पूण देवा दयेन तो पालक काय कोण तो आतां मात्सो थंडावलो आनी स्कुलाचे इस्कादीचेर माथ्यार हात घेवन बसलो.

आपल्या भुरग्यां वांगडा आयिल्ल्या, पालकां मदलो हो एकूच मनीस असो आसलो, की ताच्यो सगळ्योच हालचाली दुबावांत घाली सारक्यो आशिल्ल्यो. ना तर येदो वेळ शांत बसून आशिल्लो धडधाकट मनीस अकस्मात पिशां भशेन वागचो नाशिल्लो. ताच्या ह्या पिशेपणाचो आनी विकृतीचो फायदो टिचर पीपी घेताली.

प्रिन्सीपल आश्रमात गेल्या उपरांत तरी ह्या ब्रुतांनी आपल्या भुरग्यांक घेवन घरा वचूंक नाका आसलें? तांणीं मुजरत तशें केलें ना. तांणीं तांच्या वांगडा आशिल्ल्या त्या पिशाक फुलयलो आनी बारा वरां कडार त्या पिशाच्या आदारान, वेळे भायलो कार्निवाल कोमेस केलो. तांणी त्या पिशाक थंयचे फुलांचे वाज उबारून जमनीर मारूंक लायले. वाज फुटले आनी तांचे कुडके, वांगडच्या भुरग्यां हाताक आयतेच लागले. कॉन्वेंटांनीं शिकून सगळींच भुरगीं मनशां जाल्लीं जाल्यार ह्या देशाचेर मनशांचें राज्य येतलें आशिल्लें.

माकडा हाताक कोलीत लागल्यार विपरीतूच घडपाचो नेम आसता. हांगा माकडां भुरग्यांच्या हाताक वाजाच्या काटांचे कुडके लागले. तांणीं कळाव केलो ना. जड-जडशे कुडके हातांत घेवन ते स्कुलाच्या जनेलांच्या हारशांचेर मोखून मारले. मागीर कितें घडटलें, हाची कल्पनाच केल्ली बरी!

घडिल्ल्या प्रसंगान मातशी काचाबूल जाल्ली सिस्टर प्रिन्सिपल आतां आपले कुडींत वचून बाज्जेर पडली. जेवणाचो वेळ जाल्ल्या कारणान सगळ्यो सिस्टरी टेबलाकडेन बसल्यो. शांतकायेच्यो पुजारी त्यो. सगळें तांचें शिस्तीन चलतालें. तोंडांत घास घालचे पयलीं देवाचें नामस्मरण करचेंच पडटालें तांकां! भायर केदेंय वादळ आयलें, कितलीय

गडबड जाली तरी जेवण सोडून कोणेंच ना उठपाचो नेम आसलो त्या आश्रमाचो. आश्रम स्कुलाक लागीं आशिल्लो खरो, पूण ताची येवजण आनी वेवस्ता अशे तरेन केल्ली की स्कुलांचो बोवाळ आश्रमाक कोणाय भशेन बादचो न्हय. ताकाच लागून स्कुलाच्या दोन बिल्डिंगांमदें, दरवंट्याभितर पालकांनी घाल्ल्या गोंदळाची सुलूस सुर्वेक आश्रमांतल्या माद्रींक आनी सिस्टरींक लागली ना. पूण स्कूल बिल्डिंगेचे वयले माळयेवेल्या जनेलांचे हारशे फुटून तांच्यो कंवच्यो धर्तरेर पडूंक लागल्यो, तेन्ना तांचो हय-न्हय सो आवाज आश्रमांतल्या सिस्टर-माद्रींच्या कानार पडूंक लागलो. आपल्याचेर कसलेंय तरी संकश्ट आयलां हाची जाणविकाय तांकां जाली. त्यो आकांतल्यो. तरी त्यो जेवणावेल्यो उठल्यो ना आनी उठल्यो तरी त्यो कांयच करूंक शकच्यो नासल्यो.

एके वयस्क माद्रीक सिस्टर प्रिस्काची-प्रिन्सिपलीची-याद जाली. ती हेर सिस्टरीं वांगडा जेवणाक बसना. आपल्या वांगडा बसता. हे वेळार ती आपले कुडींत आसतली. तेन्ना स्कुलांत बी कितें घडटा जाल्यार तिका खबर आसूंक जाय म्हूण ती वयस्क सिस्टर प्रिन्सिपलीचे कुडींत गेली.

''बाय प्रिस्का, मात्शें देर उगोड पोवया!'' सिस्टरीन प्रिन्सिपलीक नमळायेन विनंती केली.

''कितें जालें इरमां?'' आश्रमांत कांय वयस्क माद्री आसल्यो. कनिश्ठ माद्री-सिस्टर्स-तांकां इरमां म्हणटाल्यो. 'इरमां' म्हळ्यार व्हडली भयण ह्या अर्थान.

''इस्कोलांत कोहलो बोबाव चोल्लाय गो?'' ते वयस्क सिस्टरीन सिस्टर प्रिन्सिपलीक प्रस्न केलो.

''इरमां, कांय पेरेंट्स आपल्या फेल जाल्ल्या भुरग्यांक पास कोर म्हूण फाटीक लागल्याय. हायें ना मुहलां म्हूण बोबाव कोत्ताय आसतोले!''

''बोबाव कोत्ताय? ते इस्कोला हारसे होट्टाय मुगो.'' वयस्क

सिस्टरीन काळजी उक्तायली.

"तुकां कोहें कोवलें इरमां?" प्रिन्सिपलीन प्रस्न केलो.

"कोहें कोवलें? हायें म्होज्या कानांनीं आयकोलां-हारशे फुटोन कोवंच्यो धोरतोरेर पोडल्या पोय त्यो."

"तोहें जाल्यार इरमां, आमी पुलिशेक कोवोयल्यार बोरें न्होय."

"आदीं कोण ते पोयतां हांव, उलोयतां तेंचे लागीं." दोगूय माद्री व्हडा नेटान भायर सरल्यो. स्कुला दारांत यो जाल्यार कितें पळेतल्यो? एकान एक वाज फोडून कयलां केल्यांत. कांय वेळ पयलीं टवटवीत आशिल्लीं फुल झाडां बावून निश्तेज जाल्यांत. आतां उलोवन कांयच फायदो जावपा नासलो. ज्या भुरग्यांक सिस्टर प्रिन्सीपल मस्तेपणाक लागून 'पनीश' करताली, तींच आतां तिका माकडावरीं केरायतालीं. चार बोडकां आसुनूय आपल्याक आटापा येवपा ना हें चिंतून प्रिन्सिपल नेटान आश्रमा दिकेने गेली. तिणें पुलिसेक फोन केलो. फोन कोणे तरी घेतलो. एका फामाद इस्कोलाच्या प्रिन्सिपलीन फोन केला तेन्ना पुलिसां कडच्यान रोकडीच कारवाय जावपाची गरज आसली. पूण पुलीस स्टेशनावेल्यान जाप आयली ती अशी-"तुमची कागाळ बरोवन दवरतां. सगळे पुलीस भायर गेल्यात, येतकच धाडून दितां."

"कितें जालें गो, धाडटाय हुंय मुगो ते पुलीस?"

"ना इरमां. पुलीस सोगले भायर जेल्याय हुंय!"

"सायबा, गुन्यांव भोगोस! तेंहां आनी हेच ओगतार भायर वोसों जाय आहलें?"

"ना इरमां, सोगली होट. कोण हुयीं वोसोंक ना. आतां माहां सोजमोलें. हें सोगलें कोणें घोडोवन हाडलां पोये तें!" सिस्टर प्रिन्सिपल खंती जावन उलयली.

"कितें म्हुणटाय गो तूं?"

"होय इरमां! हांव होरें तेंच उलोयतां. हितूं ह्या पेरेंटांचो कांय गुन्यांव ना. हें सोगलें घोडोवन हाडपाचें काम आमचेच एके टिचरीचें आनी ती

जावन आहा मॅडम पीपी!''

''कितें म्हुण्टाय गो तूं!'' वयस्क माद्रीन आपल्या उजव्या हाताचीं चारूय बोटां ओठांचेर दवरून, अजापान ती प्रिन्सिपलीक केदो वेळ पळेत रावली.

''तूं जाणाय इरमां, गेल्ल्या वर्सा एका भुरग्याक पास कोरपा पासोत पीपीन कितलो बोबाव केलेलो तो!''

''ओहें म्होण्टाय गो? तोहें जाल्यार हें सिरियस मॅटर मुगो. तूं ते प्रोफेसोरी आड पुलीसेंत कॉप्लेन कित्याक कोरी नाय?''

''ना इरमां, तोहें कोरून कोसलोच फायदो जावपा ना. पुलीस आनी इंगाचो मिनिस्टर आमचे टिचरीक सामके घोट आहाय. मॅडम पीपी, मोंत्री आनी पुलीस एक जावन माहां सोतावंक सोदताय. हें म्हाहां आतां गोमोन येयलां.''

दोगीय माद्री गोंयच्यो. दोगीय कोंकानी उलोयताल्यो. पूण दोगांचीय कोंकानी एक-शी नासली. दोगांय मदें वयाचें अंतर विशेक वर्सांचें आसलें. वयस्क माद्रीची कोंकानी पुर्तुगेज उतरांनी भरलेली आनी प्रिन्सिपलीची इंग्लीश उतरांनी. दोगांच्योय भासो वेगळ्यो, पूण कोंकानीच.

ह्या माद्रीलें एक बरें आसता. त्यो परक्यांकडेन इंग्लीश-पुर्तुगेज उलयतात. पूण आपसांत, काळजांत सावन कितेंय उलोवपाचें आसल्यार मात तांच्या तोंडांतल्यान आपोआप ना तर मुजरत कोंकानी भायर पडटा. तेन्ना कोंकानी उलोवपी किरिस्तांव भाव-भयणी साश्टीकार, बारादेसकार काय अंत्रुजकार हें पारखूं येता.

दोगीय माद्री कुशीक उब्यो रावन कोंकानीन उलयताल्यो आनी पालकां वांगडा आयिल्लो तो पिसो एकेक वाज उबारून जमनीर आपटीतालो. हेर एकठांय उबे रावन, माद्रीचेर नदर मारून आसले. तांच्यो नदरो सुचयताल्यो, प्रिस्नीपल जर भुरग्यांक पास करपाचें उतर दिना जाल्यार, पयलीं सगळे वाज फोडटले आनी उपरांत एकान एक जनेलाचे हारशे!

आपल्या स्कुलाचें अशे तरेन लुकसाण जाता तें पळोवन दोगीय माद्री निर्शेल्ल्यो. तांकां आतां कोणाचोच तेंको असो नासलो. तरी तांचो देवाचेर भावार्थ आशिल्लोच. कोणूय कितेंय म्हणूं. बऱ्या मनाचो मनीस जेन्ना संकश्टांत पडटा तेन्ना ताचे राखणेक देव धांवून येताच. आतांय तशेंच जाल्लें. दोगीय माद्री देवाचीं मनशां. मागीर तांचे मजतीक वेळार धांवन येना जाल्यार ता देव कसलो? तो कसो आनी कोणाच्या रूपान धांवून येत हेंय कोणाच्यान सांगूंक जावचेंना!

‘‘बाय प्रिस्का, तूं भियों नाहां. देव आमच्या हाटल्यान आहा. तोच आमहां सालवार कोत्तोलो.’’ वयस्क माद्रीन अशें म्हणिल्लें मात, चक्क करून तिचे तकलेंत उजवाड पडलो. तिका पात्रांवाची याद जाली.

कोण हो पात्रांव? हो पात्रांव म्हणल्यार कोणाचो धनी न्हय. धनयालो पात्रांव. पात्रांव हें माद्रील्या सुण्याचें नांव आनी माद्री ताच्यो धनी! म्हणटकीर जालोना हो धनयालो पात्रांव?

पात्रावांक एकदां सोडलो म्हणटकीर ताका कांयच शिकोवपाचें लागना. कोण चोर आनी कोण साव, कोणाक धरपाचें आनी कोणाक सोडपाचें हें पात्रांवाक ज्युस्त खबर आसता. मात पात्रांवाक सोडचे आदीं ताच्या धनयांक धा फावट विचार करचो पडटालो.

दरवंट्याच्या कुलपाक चावी करून वॉचमॅन जेवंक गेल्लो, तो आतां तिना पयलीं येवपा नासलो. दरवंट्याची दुसरी चावी आश्रमांतले एके सेविकेकडेन आसली. प्रसंगार मागून घेवपाचो हक्क फकत स्कुलाचे प्रिन्सिपलीकूच आसलो. वयस्क माद्रीन प्रिन्सिपलीक ती चावी हाडूंक लायली. कुलपाची चावी काडूंक लायली. कुलपाची चावी काडून दरवंट्याचीं दोनूय कवडां उकतीं केलीं.

कवडां उकतीं जायना फुडें, पालक अजापीत जाले. तांकां दिसलें, दरवंटो उकतो केला तो तांकां भायर वचपाक. पूण दरवंटो उकतो केल्या उपरांत भिऱ्यांनी भायर वचपाक तीं कितें कुकडां? काय दुकरां! अशे विचार पालकांच्या मनांत आयले. आपल्याक भायर कशो घालतात तें

पळोवया म्हूण ते पांय रोवन घट्ट उबे रावले. तांकां बाबड्यांक माद्रीली कल्पना खंय खबर आसली? माद्रींक धडो शिकोवपाक ते आसरमांडी घालून थंयच बसले. 'रास्ता रोको' करतात ते भशेन.

पूण तांची ती मस्ती आनी खोशी चड वेळ तिगली ना. पात्रांवान तांकां पयस रावन पळेले. थंयच्यानूच भोंक-भोंक करीत, उडयो मारीत तो तांच्या आंगार धावून गेलो. बशिल्ले पालक कशे भशेन उठले आनी जीव आसल्यार भीक मागून खायन म्हूण, वांगडच्या भुरग्यां सयत, शेंपडी तुटयत पळून गेले.

ह्या प्रसंगान माद्रीले संपत्तीचें व्हड लुकसान जालें खरें. पूण फुडाराक स्कुलाचेर असलो प्रसंग येवचो न्हय असलो प्रताप पात्रांवान करून दवरिल्लो. माद्रींक तितलेंच पुरो आसलें. तांकां हें प्रकरण वाडोवपाची इत्सा नासली. तरी कोणाचे तरी सांगणेन थंय पत्रकार पावलेच.

दुसरे दिसा घडलेल्या प्रसंगाची फोटो सयत खबर छापून आयली. हे खबरेन दुश्टांक शासन मेळूंक जाय आसलें तें मेळ्ळेंना. मात टिचर पीपीन आपलें सादोवन घेतलें. हें घडलां तें प्रिन्सिपलीच्या चुकांक लागून. तिणें जर भुरग्यांक नापास करूंक नाशिल्लीं, तर पालक चाळवचे नासले अशें उलोवन ती उज्यांत तेल ओतपाचें काम करूंक लागली. हातूंत प्रिन्सिपलीची चूक कांयच ना, अशें चडशा पालकांचें मत्त आसलें. पूण लोकाशायेच्या राज्यांत गुंडशाय चलयतल्यांक सत कोण समजावन सांगतलो? आनी समजावपाचो कितलोय प्रयत्न केलो तर आयकून तरी कोण घेतलो? हांगा सगळ्यांक आयकूंक येता तो सत्ताधाऱ्यांचोच आवाज.

आनी एक दीस, स्कुलाच्या तोड-फोड प्रकरणांत 'सिस्टर प्रिस्काची चवकशी जावची' असो आदेश, माद्रील्या कॉंग्रीगेशनचे मुखेल माद्रीन काडलो. सिस्टर प्रिस्काचेर मुखेल दोन आरोप अशे आसले : १-तिका फाव जाल्ल्या हुद्याचो गैरवापर २ - हिन्दू भुरग्यांक बळजबरीन इगर्जेत धाडून मीस आयकुपाक प्रवृत्त करप.

आदेशपत्रा वांगडाच सिस्टर प्रिस्काचो निकालय लागिल्लो.

:२२:

माद्रील्या पात्रांवान (सुण्यान), माद्रींक संकश्टमुक्त केलें. हे फुडें कोणेंच स्कुलाचो वा आश्रमाचो दरवंटो हुपून भितर सरपाचें धाडस करचें न्हय, असो भंय पालकांच्या मनांत त्या राखणदारान निर्माण केलो! जेन्ना सत्ता दुर्बळांक फाट करता, तेन्ना देव अशे तरेन तांची राखण करता. देवाचे सत्ते फुडें कोणाचें कितेंच चलना ह्या संवसारांत. 'देव तारी ताका कोण मारी' म्हणटात तें फट जावं नज.

पात्रांवाच्या भंयान गूंड पळून गेले. आश्रमांतल्यो माद्री भंयाविरयत जाल्यो. पूण सिस्टर प्रिस्काचीं पाळां-मुळां मात सैल जाल्लीं. आपल्याची आतां धडगत ना. ह्या फुडें आपूण ह्या स्कुलाची प्रिन्सिपल म्हूण हांगा कशीच उरची ना. खंयी तरी आपली बदली जातली. कसल्याय कामाचेर केन्नाय नेमणूक जावंक शकता. ती आपणावचीच पडटली. 'कनिश्ठांनी' वरिश्ठांचो आदेश पाळुंकूच जाय, असो तो काँग्रीगेशनाचो नेम आसलो.

आपलें प्रिन्सिपल पद वता हाचे बद्दल सिस्टर प्रिस्काक वायट दिसनासलें. पूण ह्या देवाच्या राज्यांत आपल्याचेर अन्याय जाता, हाचें दुख्ख सोंसप तिचे ताकती भायर आसलें. तरी नाइलाजान तिका तें देवा खातीर सोंसचेंच पडटालें. तिकाच अशें न्हय हे आदींय खूबशा माद्रींक तें सोंसचें पडलां, ह्या फुडेंय तांकां तें सोंसचें पडपाचें आशिल्लें!

ह्या दिसांनी सिस्टर प्रिस्काचें चित्त थाऱ्यार नासलें. त्या आदीं आपलो प्रत्येक दीस देवा कृपेन बरो वता, अशें दिसतालें तिका. ताका लागून देवाचेर भावार्थ दवरून आपलो सगळो कारबार चलयताली ती. ती एकटीच न्हय. आश्रमांतल्या चडशा माद्रींचें जिवीतकार्य अशेंच आसता. आपणे कसलीच चिंता करची न्हय, सगळें देव पळोवन घेतलो हें एक तत्व मनांत बाळगिलें आनी कार्य करतां-करतां संकश्टाची सुलूस लागली तर जेजूचें स्मरण करून आंगार खुरीस काडलो की आपल्याक कोणाचो भंय बाळगुपाचें कारण ना, असले शिकवणे खाला बिनधास्त

वावुरपी ईशसेविका त्यो!

अशें जरी आसलें, तरी मळबांत असंख्य नखेत्रां मिणमिणटात आनी ताचे मदीं एकाद्रो तारो चमकून आपूण ह्या नखेत्रांहून वेगळो आसां, हें तो सिद्ध करताच. ताचेर कोणाचें कितलेंय चेंपण आयलें तरी आपलें तेज तो लिपोवन दवरूंक शकना. कारण ते खातीर तो जल्माक येवंक ना. ताचें काम संवसाराक प्रकाश दिवपाचें आसता. सिस्टर प्रिस्काचेंय तशेंच आशिल्लें. ती हेरांभशेन आश्रमांतली माद्र आसली. तरी पूण ती हेर माद्रीं भशेन खालत्या माथ्यान जगूंक शकनासली. आयज मेरेन कसल्या ना कसल्या चेंपणा खालाच वावुरचें पडिल्लें तिका..

ल्हानपणांत सगळींच आपलो आवय-बापूय सांगता म्हूण माद्री जातात. माद्री जाल्यार जेजूच्या आशिर्वादान समाजाची सेवा केल्यार आवय-बापायचें नांव वयर सरता आनी पुण्यय पदराक पडटा. आनीकूय खूबशीं कारणां आसूं येतात. पूण 'समाजसेवा हीच ईश्वरसेवा' हेंच मुखेल कारण आसता माद्र जावपाचें.

सुर्वेक सिस्टर प्रिस्काय तशांतलीच आसली. एक खारविणीलें पोर फुडें उजवाडाक येवचें, देवाच्या राज्यांत तिका तशी संद आसा, एकदां देवाच्या राज्यांत पावतकच ती खारवीण उरची ना आनी बामीणय जावचीना. ती आसतली फकत एक पवित्र भयण-पवित्र आवय.

देवाच्या राज्यांत जातपात मानीनांत. थंय सुवार्थाक सुवात ना. थंय वावुरतात त्यो देवाच्यो धुवो आनी देवाचे पूत! वट्ट भाव-भयणां! एकमेकांचेर मोग करपी आनी मोग घडोवन हाडपी! सगळीं सतान वागपी. सताक देव मानून ताची पूजा करपी. वडिलांनीं आनी धर्माधिकाऱ्यांनीं दिल्ली असली शिकवण मतींत घेवन, देवा राज्यांतलीं भाव-भयणां नीट मार्गान चलतात. तांणीं शिस्तीन, माये-मोगान आनी हांसत-खेळत वागून संवसारांत सूख-शांती नंदवची अशीच सगळ्यांची अपेक्षा आसता.

पूण सिस्टर प्रिस्काक मात हांगा वेगळो अणभव येता. चडशा

सिस्टर-माद्रीच्या ओंठार हांशें आनी पोटांत नाशें खिणा-खिणांत दिसून येता तिका! कितलींय जाल्यार शेकीं मनशांच तीं! सगळ्यांचोच मूळ सोबाव बदलपाक वरिश्टांक शक्य जायनासलें. सिस्टर प्रिस्का सारकीं जीं आपूण जावन स्वता बदलपाचे वाटेर पावलां मारपाचे प्रयत्न करतात तेन्ना, तांकां आडमेळीं हाडपाचीं कामां दुश्ट प्रवृत्तीकडल्यान घडटात. सिस्टर प्रिस्काच्या वांट्याक असले प्रसंग खूबदां आयल्यात. तेन्ना तिका पेटून उठचेंशें दिसलां. आपल्याच भनशांकडच्यान आपल्याचेर अन्याय जाता, अशें जेन्ना तिका दिसलें तेन्ना तिका दिसतालें, आपणें हें माद्रीपण सोडचें, आनी घरा वचून नुस्त्या पाटलो घेवन बाजाराक वचचें. आवय म्हऱ्यांत बसून नुस्तें विकचें. स्वतंत्रकायेन दीस घालोवचे. तशें केल्यारूच आपूण सुखाक पावतलें, अशे विचार ताच्या मनांत घोळूंक लागिल्ले. नकली देवसपणांत रमून वायट देख दिवचे परस माद्रीपण ताका सोडीन-शें दिसतालें खरें, पूण ताका सोडपाचें धाडस मात जाय नासलें. ही वाट सोडून घरा गेलें जाल्यार मांयचे भशेन खारविणीचो धंदो करूंकूच जाय अशें नाशिल्लें. बऱ्या स्कुलांत वचून बरें शिकप घेवंक जातालें. काजार जावन बऱ्या भुरग्यांची आवय जावं येताली. तांकां बरी देख शिकोवन व्हडलीं करूं येता, तेंय एक देवाचेंच व्हडलें काम, अशेंय ताका दिसतालें.

पूण प्रिस्काचें मन रोकडेंच बदलतालें. आपूण जर शिकून सवरून काजार जावंक गेलें आनी आपल्याक न्हवरो कसल्या कसलोय मेळ्ळो जाल्यार? कितलेंय जालें जाल्यार आपूण खारविणीली धूव. बरो शिकिल्लो आनी बऱ्या मनाचो, बरे देखीचो न्हवरो मेळतूच अशें कोणाच्यान सांगूं येता? आपले आवयचें कितें जालें? मोग करचे वेळार तो तिका बरो दिसलो. आनी मागीर कितें जालें? आपलेंय तशेंच कितेंय जाल्यार? गांवांतूय खारवीण उरतलें आनी हांगाय खारवीणूच! तेन्ना नशिबांत आयिल्लें भोगपांतूच शाणेंपण आसा म्हूण प्रिस्कान आपलें माद्रीपण फुडें चालूच दवरलें.

लोकांनीं ताका पावला कणकणी खारवीण म्हूण हिणसायलें. पूण

प्रिस्का आपल्या बऱ्या गुणांकूच दसून रावलें. आपणाली आवय खारवीण आसली तरी आपूण खारवीण न्हय. आपूण देवा मनीस. देव दुसऱ्यांचें बरें करता, आपुणूय दुसऱ्यां खातीर बरेंच करूंक वावुरतलें अशें चिंतून, आपल्या मुखार येता त्या प्रसंगांक तोंड दीत, वरिश्ठ सांगता तें करीत फुडें गेली. केन्नाच तिणें आपल्या वरिश्ठांचो प्रतिकार केलो ना. पूण आतां मात मुखेलीच्या आदेशाक आव्हान दिवचेंशें दिसलें सिस्टर प्रिस्काक!

ती जर शिस्ती भायर वागिल्ली, तिचो गुन्यांव मुखेलीन दाखोवन दिल्लो, तर आपल्या गुन्यावांची ख्यास्त भोगूंक ती मात्तूय अनमनची नासली. तितली उकत्या मनाची आसली ती!

पूण हांगा आपलो कसलोच गुन्यांव नासतना, सतान वागता आसतना, स्कुलांत शिस्त राखपाचे प्रयत्न करता आसतना, गांव गुंडांक आनी अक्कलशुन्य मंत्र्याक खोशी करपाक मदर जनरल आपलो बळी दिवंक सोदता, अशी सिस्टर प्रिस्काची भावना जाली. खरें म्हणल्यार सिस्टर प्रिस्काची चवकशी एक फार्स आसलो. तापिल्लें वातावरण थंड करपाची ती एक रीत आसली. कागाळ करतल्याच्या तोंडाक पानां पुसपा खातीर मदर जनरलीन फुडें केल्ली एक चाल आशिल्ली. लोकांकडल्यान अशो शेकड्यांनीं कागाळ्यो मदर जनरलीकडेन येताल्यो आनी ती कोणाक दुखयनासतना आपले परीन सोडयताली.

मदर जनरल सिस्टर प्रिस्काक भोव बरी वळखताली. ती एक बरे देखीची, शांत सभावाची, सगळ्यांकडेन शिस्तीन आनी मेळून-मिसळून वागपी माद्र हें मदर जनरल जाणां आसली. अशें आसतना ती आपले आवडिचे माद्रीची चवकशी कशी करतली? हां, जेन्ना-जेन्ना स्कुलांत कसल्या ना कसल्या कारणांक लागून बोवाळ जाता तेन्ना-तेन्ना तो शांत करपाक कोणाचीय तरी इंक्वायरी करपाचो आदेश तिका काडचोच पडटालो. पूण तें निव्वळ नाटक आसतालें. 'इंक्वायरी' हें उतर कागाळ करतल्याच्या कानार पडटांच ताचो आत्मो शांत जातालो. मागीर ते

‘इंक्वायरी’चें कितेंय जावं!

आतां परिक्षा जाल्ल्यो. निकाल लागले. सुटयो पडल्यो.भुरगीं पास जावपाक जाय तींच जालीं. सगळ्यो शाळो थोडे दिसां खातीर शांत जाल्यो. सिस्टर प्रिस्काची चवकशी जातली म्हूण टिचर पीपीचो आत्मोय शांत आनी मंत्रीय खूश!

अशें जरी आसलें तरी मदर जनरलीक मडगांवच्या पालकांच्या तोंडांतल्यान सिस्टर प्रिस्काक सोडोवंकूच जाय आसली. सिस्टर प्रिस्काक ख्यास्त भोगोवपाक न्हय, पालकांच्या दोळ्यांक उदक लावन, संस्थेंत शांतकाय थापीत करपा खातीर!

फुडलें शिक्षणीक वर्स सुरू जालें आनी सिस्टर प्रिस्काची बदली, मडगांवच्या स्कुलापसून पयस आशिल्ल्या कलकत्त्याक जाली. थंयच्या एका व्हडल्या हायस्कुलाची मुखेली केल्ली तिका. ती एक देवान दिल्ली बक्षिशीच आसली.

:२३:

मे म्हयन्याच्यो सुटयो पडल्यो. भुरगीं आनी टिचर आपापले मर्जे प्रमाण सुटयांचो आनंद भोगूंक लागलीं. शीला मात दुख्खी आसलें. सिस्टर प्रिस्काचें प्रकरण ताणें आपल्या मनाक चडच लावन घेतिल्लें. सिस्टर प्रिस्काचेर संस्थेन केल्ले आरोप शीलाचे दिश्टीन अन्यायी आसले. एका आरोपाचें कारण तर शीला आसलें. शीला जर प्रिन्सिपलीच्या वांगडा इगजेंत मिसाक वचूंक नासलें तर तिचेर येदो व्हडलो आरोप करपाचें धाडस कोणाक जावचें नासलें. ताच्या घरच्यांनीं जर प्रिन्सिपल वा खंयचेच माद्री आड कागाळ केल्ली तर गजाल वेगळी आसली. शीलाचे इत्से आड कोणेंय ताका मिसाक व्हेल्लें तरी प्रिन्सिपलीक कोणूय जाप विचारूंक शकतालो. पूण हांगा एक हिन्दू टिचर आपलो सुवार्थ सादोवन घेवपा खातीर एके हिन्दू संघटनेकडेन कागाळ करता आनी ती संघटना येद्याचें येद्दें करता. घडिल्ल्या प्रकरणाक धर्मीक स्वरूप दिता.

खरें म्हणल्यार आसल्यो संघटना खंयच्याय धर्माचें वा समाजाचें बरें करपा खातीर उब्यो केल्ल्यो नासतात. त्यो उब्यो केल्ल्यो आसतात, स्वताचो सुवार्थ सादोवन घेवपा खातीर!

कसलोच काम-धंदो नाशिल्ले चार मनीस एकठांय येवचे, खंयच्याय तरी देवाच्या नांवान संस्था थापन करची. संस्थेचो विकास घडोवन हाडपा खातीर राजकारण्यांचो आदार घेवंचो. दरेक वेंचणुके वेळार संस्थेच्या मुखेल्याक पयसो दिवंचो. आनी देवाचो सोपूत घेवन आपल्या पक्षाक मतां मारूंक लावचें. असलीं कुकर्मा फकत हिन्दूच करतात अशें न्हय, हेर धर्मीक लेगीत अशेच वागून आपापल्या धर्माक बदनाम करतात. ताका लागून नीट मार्गान चलपी, निश्पाप लोकांचो विश्वास देवाचेर उरना. देवाविशीं लोकांच्या मनांत गोंदळ निर्माण जाता.

शीलाच्या जिवितांतूय एकेक प्रसंग असो घडटालो की, ताचो देवावेलो विश्वास दिशीं-दिशीं उणो जायत वतालो.

सिस्टर प्रिस्काची बदली जाली तेन्ना तें धावेक आसलें. वयान चवदा-पंदरा वर्सांचें! बुद्ध तीख आशिल्ल्यान खूब कितें कळटालें ताका. फाटल्या यादींतल्यान आयच्या घडणुकांची तुळा करूंक कसलीच अडचण पडनासली ताका.

जुनाचे सातवेर स्कूल सुरू जावपाचें आसलें. दर वर्सा मेचे वीस तारखेक एस्.एस्. सी. चो खास वर्ग सुरू जातालो. वर्गाची वेळ आसताली सकाळचीं साडे आठ ते साडे अकरा. हेय वर्सा वीस तारखेक वर्ग सुरू जालो. पूण वर्गाचेर देखरेख करपाक सिस्टर प्रिन्सिपल नासली. खयीं गेली जाल्यार ती वीस तारखेक स्कुलांत हाजीर रावतालीच. शिकप्यांचेर नदर दवरूंक न्हय तर शिक्षकांचेर देखरेख दवरपाक.

आयज एस्. एस्. सी. चो वर्ग शिपायान आठांकूच उक्तो केलो. पूण ऑफिसाक अजून कुलूप आशिल्लें. प्रिन्सिपलीच्या कॅबिनाची रचना अशे तरेन केल्ली की, बेल मारल्या बगर कोणाक भितर प्रवेश मेळचो न्हय.

आयज शीला आठांकूच स्कुलांत आयिल्लें. सिस्टर प्रिन्सिपलीचो मोगाळ चेरो कितल्या दिसांनीं पळोवंक मेळटलो हे आशेन! हे आदींय तें प्रिन्सिपलीकडेन उलोवंक मेळचें म्हूण सगळ्यां आदीं स्कुलांत हाजीर रावतालें. सिस्टर प्रिन्सिपलीकूय शीलाचें मन वळखून, कसलें ना कसलें निमित्त काडून, शीलाकडेन उलोवपाक कॅबिनांत येवन आदींच बसताली. असेंब्लीची पयली बेल जाय मेरेन उलयत रावतालीं दोगांय जाणां. उलोवपांत तीं इतलीं रंगतालीं की वेळार पयली घांट मारपी शिपाय तांकां आपलो व्हडलो वैरी कसो दिसतालो.

आयज कार्यालय बंद आसलें. अर्थांत प्रिन्सिपल आपल्या कॅबिनांत नासली. शीला निर्शेलें. बेगीन येवन आपणें पिशेपणां केलीं अशें ताका दिसलें. ती आतां येतली काय ना, हाची शीलाक खात्री नासली. तरी तिचे वाटेकडेन दोळे लावन तें पिशें कशें एके सुवातेर केदो वेळ उबें रावलें. प्रिन्सिपल आतां येवची ना अशी ताच्या मनाची खात्री जाली तेन्ना मात शीलाचें मन सैरभैर जालें. ताचे पांय अथीर जाले. काळीज इल्लें चड धडधडूंक लागलें. ताणें नकळत थंयचे थंयच एक भोंवडी मारली. परत एकदां ताणें कार्यालयाचेर आशेन नदर मारली. तेन्ना मात ताका विचित्र असो भास जालो. दाराक कुलूप लायिल्ल्यान प्रिन्सिपल व्हरांड्यार उबी आसा आनी मॅडम पीपी हातांत चावये सरपळी घुंवडायत प्रिन्सिपली मुखार दांत भायर काडून पासयो मारता–असो तो भास!

शीलाच्या मनांतलो हो फटकिरो देखावो ताच्यान सोसूंक जायना जालो. ताचे दोळे ओले जाले. म्हणटा म्हणसर दोळ्यांक अकस्मात भरती आयली आनी भळ्ळ करून दुकां गालार गळ्ळीं. तीं तशींच खाला देवन जमनीर पडून कोणालेय अपवित्र पांय तांचेर पडचे न्हय म्हण ताणें तीं दुकां बोल्सांतल्या लेंसांत वयल्या वयर जिरयलीं. मागीर तें तशेंच फाटीं सरलें. पूण फाटीं सरून तें वतलें तरी खंय? वर्गांत अजून कोण येवंक नासलो.

सकाळची वेळ आशिल्ल्यान हवेंत अजून थंडसाण मिरयताली.

वर्गांतले बंदखणींत बसचे परस वाऱ्या सांगातान पासय मारप शीलाक आवडटालें. पूण निरूद्देश पासयो मारप हें पिशेपणाचें लक्षण थारता, हाची कल्पना शीलाक आसली. त्या भायर मनशाचें मन दुख्खी आसल्यार सरभोंवतणचो चराचर दुख्खी आशिल्ल्याचो भास त्या मनशाक जाता. हांगा शीलाचेंय तशेंच जाल्लें. ताच्या दुख्खाचो परिणाम सरभोंवतणच्या चराचराचेर जाल्लो अणभवाक येतालो. कांय दिसां आदीं स्कुलाच्यो दोनूय इमारती भुरग्यांनीं गजबजताल्यो. आतां त्यो मोन्याचें सवंग घेवन खट कशो उब्यो आसल्यो. वर्गा भितर कशेंय आसूं, भुरगीं वर्गा भायर आयलीं म्हणटकीर तांचीं मुखामळां खोशयेन उजवाडटालीं. तातूंत शीलाचोय आसपाव आसलो. पूण तेंच शीला आयज तें दिसनासलें. 'तें' शीला असंख्य मोतयां मदल्या एकमेव हिऱ्यावरी चकचकतालें. केद्याय व्हडल्या भुरग्यांच्या चोम्यांत तें उबें रावलें जाल्यार, कितलेय पयस आशिल्ल्या मनशांची नदर शीलाचें व्यक्तीमत्व आपलेकडेन ओडून घेतालें. आनी आयज? आयज ताची अवस्था, वारें भरून टणटणीत जाल्ल्या फुटबॉलाचो वारो काडून घेतिल्ल्यावरी जाल्ली. ताच्या पायांतलें त्राण गेल्लें. मन अथीर जाल्लें. कोणूय वांगडा आशिल्लें जाल्यार लेगीत ताचेकडेन उलोवपाक उतरां सुटचीं नासलीं ताच्या तोंडांतल्यान!

अजून क्लासाचीं भुरगीं येवंक नाशिल्लीं. टिचरींचोय अजून पत्तो नाशिल्लो. जें घडटा, तें शीलाच्या पथ्थ्यार पडटालें. भुरगीं आयिल्लीं जाल्यार शीलाक तांचेकडेन नाटकां करचींच पडटलीं आसलीं. आदींच ताका तीं नांवां दवरतालीं. 'गर्वाचें! व्हडलेंच समजता आपल्याक! तें व्हडलें गिरेस्त जाल्यार ताच्या घरा! आमचेकडेन बरेंभशेन दोन उतरां उलोवंक कितें जालां?' शीला नदरेक पडटांच असलीं कुन्नाटपणाचीं उतरां भायर पडटालींच ताच्या वांगड्यांच्या तोंडांतल्यान. तरी शीला गरजे पुरतें उक्त्या मनान उलयल्या बगर रावनासलें तांचेकडेन. पूण आतां मात अडेचें हांशें मुखामळार हाडप जमचें नासलें शीलाक!

शीलाक दिसलें, आतां आपलें बावकें मुखामळ घेवन क्लासांत

बसचे परस घरा गेल्यार कितें वायट? जिवाक बरें नाशिल्ल्याचें निमित्त करून घरा गेल्यार कोण कांयच म्हणचो ना. आनी तें फटीचेंय कांयच करिनासलें. खऱ्यानीच ताचें मन अस्वस्थ जाल्लें आनी आंगांतली शक्त उणी जाल्ल्याचें जाणवतालें ताका.

शीला घरा वचपाचें चिंततालें खरें पूण एक गजाल तें विसरूनूच गेल्लें. ताचो ड्रायव्हर ताका सोडून गेल्लो. ताका ताणें अकरांक आपयल्लो. आतां तो ताचे पयलीं कसोच येवचो नाशिल्लो! शीलाच्या मनांतले तळमळे देवाक जाणवले जावंये! कोणाल्या तरी उल्याचीं उतरां रस्तीन येवन ताच्या कानपटार आदळ्ळीं-

"व्होट आर यू डुईंग देअर, माय चायल्ड! काम, काम!" ती वयस्क माद्र दोनूय हात हालोवन मोटद्यान आड्डेली. आश्रमांत काम करतां-करतां अकस्मात भायर पासय मारपाची संवय तिका. आतांय ती तशीच भायर आयिल्ली. देवा कृपेन तिची नदर अकस्मात शीलाचेर पडली आनी ती खोशेली.

ही वयस्क माद्र आदले तेंपावेली एक उक्त्या मनाची, निर्मळ काळजाची, सदांच हासत्या चेऱ्यान वावुरपी माद्र! खंयच्याय वेळार कोणाकूय पावपी. मात आपलें काम सोडून कोणाच्या कामांत मेत्यार जावपी न्हय.

शीला आनी सिस्टर प्रिस्का हांचे मदलें नातें कितलें घट आसलें, हाची कल्पना ते व्यक्त माद्रीक आसली. सिस्टर प्रिस्काकडेन उलयतना ते माद्रीन शीलाक पळयल्लें. शीलाचें जणेक उतर ओड लायणें आनी गोड लागतालें ते माद्रीक. आपणेंय शीला म्हऱ्यांत वचून ताची अपुरबाय करची, थोडो वेळ ताचेकडेन उलयत रावचें अशें ते माद्रीक दिसतालें. पूण आपल्याक लागून शीला आनी सिस्टर प्रिस्काची इश्टागत भंगची न्हय, म्हूण ती शीलापसून पयस पयस रावताली.

पूण आतां मात शीला तिका स्कुलांत पोरकेंशें दिसलें. आयज स्कुलांत मॅट्रिकेचो खाशेलो क्लास आसा, ही खबर ते माद्रीक नासली.

ते भायर सिस्टर प्रिस्काचो ह्या स्कुलाकडेन आतां कसलोच संबंद उरूंक ना, हाची खबर शीलाक नाशिल्ली. माद्रीक दिसलें शीला सिस्टर प्रिस्काक मेळूंक आयलां जातलें आनी ती ना म्हूण तें निर्शेवन थंय पासयो मारता. ताका खरी गजाल कळची म्हूण, ती सांगपा खातीर माद्रीन शीलाक उलो मारिल्लो.

माद्र आश्रमाचे बागेंत रावन शीला येवपाची वाट पळेताली. इतल्यान शीलाचो आवाज आयलो–

''मादर, आय कान्ट कम देअर. आय हॅव स्पेशल क्लास टू डे!'' मनांत आसुनूय शिस्तीच्या शीलान माद्रीच्या म्हऱ्यांत वचपाचें टाळ्ळें.

''बाय भियों नाहांय गो तूं. हांव सांगतां तुजे प्रोफेसोरीक.'' तरी शीला गेलें ना. सिस्टर प्रिस्काची स्कुलाच्या सगळ्या भुरग्यांक सुचोवणी आसली, प्रिन्सिपल ना तर खंयचेय टिचरीक सांगल्या बगर शाळेचो वाठार सोडचो न्हय. हांगा अजून टिचर येवंक नाशिल्ली खरी, पूण येतकीर शीलाक आश्रमाचे बागेंत पळेल्यार तिका आयतेंच निमित्त मेळटलें मेळत ताचेकडेन कागाळ्यो करपाक. आनी शीला तर असली संद खंयचेच टिचरीक दिवंक तयार नासलें.

खरें म्हळ्यार शीला सिस्टर प्रिस्का फाटल्यान हे जाण्टे माद्रीकूच चड मान दितालें. हाचें कारण ही माद्र सिस्टर प्रिस्काची सदांच बरें मागपी. तिचेर केदेंय व्हडलें संकश्ट आयलें जाल्यार ती तिच्या तेंक्याक उबी रावताली. तरी शीला आपली शीम हुपूंक अजिबात तयार नासलें. तें ते माद्रीक फाट करून आपल्या वांगड्यांचे वाटेकडेन लक्ष दीत उबें रावलें.

शीला ते वयस्क माद्रीक फाट करून उबें आसलें खरें, पूण ताचें मन मात माद्री भोंवतणी भोंवतालें. माद्र बागेंत अशे सुवातेर उबी आसली, जी पुष्पपात्रांनी सजयल्ली. वाझांतलीं विंगविंगड रंगांचीं, परीपरींची फुलां पळेतल्यांचीं मनां आपलेकडेन ओडून घेतालीं.

शीलाक तर फुलांचो चड मोग. ताका खूबदां दिसतालें की बागेंत वचून फुलांक तोखेवचें. तांकां हात लायनासतना तीं वयल्या वयर हुंगचीं.

एके सुवातेर उबें रावन तांचे रंगाकार दोळ्यांनीं साठोवन घेंवचे. ताणें मनांत हाडिल्लें जाल्यार खंयचेय एके सिस्टरीक फावोर घालून आपली इत्सा तें पुराय करूंक शकतालें. कोणूच ताका ना म्हणचीं नासलीं. पूण केन्नाच ताणें कोणाकडेन उतर घालें ना. कारण ताच्या तें सभावांत बसनासलें. पूण आतां ती संद ताका प्राप्त जाल्ली. पूण ताचें दुख्खी मन कसल्याच सुखाचो विचार करूंक शकनासलें.

शीलाचें मन कशेंच थीर जायनासलें. सिस्टर प्रिस्का नदरेक पडल्या बगर तें थीर आनी शांत जावपाची शक्यताय नासली. ताच्या मनांत सिस्टर प्रिस्काचे विचार घोळटा आसतनाच ताच्या केंसांवेल्यान कोणे तरी सुखदिणो हात भोंवडायलो. कोणाचो हात आसुंये तो? सिस्टर प्रिस्काच्या हाताची ताका संवय आसली. तरी ह्या हातांची उब सिस्टर प्रिस्काच्या हाता सारकीच सुखदिणी आसली. पूण तो हात सिस्टर प्रिस्काचो नासलो, हाचीय जाणविकाय ताका तेच वेळार जाली.

''मादर!'' शीलान माद्रीच्या हाताचो उमो घेत उद्गार काडलो.

''बाय शीला, कितें कोत्ताय गो तूं हिंगा! आपोयल्यार कित्याक येवंक नाय?''

''सॉरी मादर! आतां क्लासाचो वेळ जालो. स्कुलाचो वाठार सोडून भायर गेल्यार मॅम रागार जातली!'' शीलान नमळतायेन जाप दिली.

''व्होय, व्होय! माहां सोजमोता. बोरे देखीचीं भुरगीं ओहींच चिंतताय!''

''मादर, म्हाका सिस्टर प्रिन्सिपलीक मात्शें मेळूंक जाय आसलें. आसा ती आश्रमांत?'' शीलान उत्सुकतायेन प्रस्न केलो.

''ना. सिस्टर प्रिस्का आतां हिंगा ना.'' हीं उतरां आयकून शीलाच्या काळजांत धस्स जालें. ताच्या दोळ्यां मुखार काजुले लिकलिकूंक लागले. ताच्या मनांतलो दुबाव खरो जालो.

''खंय गेली तर सिस्टर प्रिन्सिपल!''

''ती आतां ह्या इस्कोलाची प्रिन्सिपल ना. चोल आतां म्होज्या

बाराबोन. हिंगा उलोवप नाहां. म्होज्या क्वार्तार ये. तुहां सोगलें सांगतां. तूं भियों नाहांय गो. ही पोय तुजी प्रोफेसोर आयली. हांव सांगतां तियेक.''

''गुड मॉर्निंग मदर! मदर हाव आर यू?''

''हांव बोरी आहां गो. तूं कोही आहाय प्रोफेसोरा लुसी? जायते तेंपान मेवली तूं माहां. भुरगीं बा बोरीं आहाय मुगो?''

''हांव 'बरो' आहा मदर! घोच्चीं सोगली बोरे आहा.''

''माजें एक काम कोत्ताय गो?'' माद्रीन हालत-धोलत प्रस्न केलो. हे वयस्क माद्रीलें उलोवप पुर्तुगेज स्टायलीचें. कोंकानी भासेंतूय पुर्तुगेज उतरां चड. इंग्लीशीची तर तिका खूब भिरांत दिसताली. इतली की इंग्लीश हायस्कुलांतले कोंकणी-मराठी टिचरीक दिसतां पळे तितली. तरी ती उलोवपाचें केन्नाच सोडून दिनासली.

''कोहलें मदर?'' टिचर लुसीन तत्परतायेन प्रस्न केलो.

''मात्शें हे शीलाक म्हाज्या बाराबोन्न कोंवेतांक धाडटाय? रोकडेंच पोत्तें धाडटां.''

''शुअर, नो प्रॉब्लेम. यू कॅन टेक हर!''

ही टिचर लुसी केरळची. सायन्स शिकयताली. तिचें शिकोवप खंयीं पांवूं, तिका भुरग्यांचो चड मोग. आपल्याक कितेंच लुकसाणाक पडना जाल्यार आनी सगळें कायद्यांत बसता जाल्यार कोणाकूय खंयच्च्याय वक्तार मजत करपाक फाटीं रावची ना. तशें करता आसतना मेजावयलें केळें काडून इश्टागत जोडपाक तिचो सदांच पयलो नंबर आसतालो.

तिका कोंकणीचो चड मोग. गोंयकारां तिचेकडेन इंग्लीश उलयतात तेन्ना ती तांचेकडेन कोंकणीन उलयताली. ती कोंकणी मागीर कसलीय आसूं, ताळतंत्र नाशिल्ली. दादल्याक बायल म्हणटली आनी बायलेक दादलो. तशें पळोवंक गेल्यार गोंयच्यो बायलो म्हाताऱ्यो लेगीत केंस कापून घेवन जीन पेंट घालून वावुरतात तेन्ना टिचर लुसीची कोंकणी तांचे खातीर फाव तशीच आसताली म्हणूंक जाय. ती कोंकणी उलयतासतना कोणूय हांसलो जाल्यार हांसतल्याचें ती कोंत करिनासली.

तशें पळोवंक गेल्यार आयज निजाच्या गोंयकारांक तरी खरी कोंकणी खंय उलोवंक येता?

ते वयस्क माद्रीन आतां आपलो सुको हात शीलाच्या खांदार घालो. ताका ती वेंगेंत घेवन लकत-लकत आश्रमाचे दिकेन चलूंक लागली. दोन मनां आतां दोन विचारांनी बुडिल्लीं. एक मन शीलाचे उबेन टवटवीत जाल्लें. दुसरें सिस्टर प्रिस्काचे चिंतेन बाविल्लें. आयचो प्रसंग उप्रासूं नासलो जाल्यार मात दोनूय मनां, तांकां अकस्मात मोरपाखां फुटिल्लेवरी थुंयथूंय नाचतलीं आसलीं. ताजो-बावको भेद विसरून!

ती वयस्क माद्र आता शीलाक घेवन बद्द सिस्टर प्रिस्काले कुडींत गेली. आता ती कूड प्रिस्काली नासली, तरी कांय दीस पयलीं ती ते कुडींत रावताली म्हूण ती कूड सिस्टर प्रिस्काली म्हणची पडटा. दुसरी गजाल अशी की ती कूड अजून दुसऱ्या सुवादीन जावं नासली.

ते वयस्क माद्रीन आतां कुडीचें दार उक्तें केलें. तिचे फाटोफाट शीलान कुडींत प्रवेश केलो. तें पयलेच फावट येनासलें ते कुडींत. हे आदीं खूबदां सिस्टर प्रिस्का वांगडा, व्हडा उमेदीन हांसतें तोंड घेवन आयिल्लें तें, आनी आयज? आयज मनांत कसलो तरी हुस्को, भंय आनी दुबाव घेवन आयिल्लें तें एके म्हातारे माद्री वांगडा. येवचेलें निमित्त अजून खबर नाशिल्ल्यान शीलाच्या काळजाचो ठोको इल्लो वाडत आशिल्लो.

''बाय शीला, यो बोस! इल्लीशी च्याव कोरून हाडटां तुहां.''

''मादर, हांव असले वेळार च्या घेना.''

''तोहें जाल्यार कोक हाडटां.'' अशें म्हणून माद्र ताकतिकेन भितर गेली.

माद्र भितर वतकीर शीलान सगळे कुडीचेर नदर भोंवडायली. कुडीचें सगळेंच वातावरण बदलून गेल्लें. कुडींत बाज्ज आशिल्ली, पूण बाज्जे वयलें कुलच्यांव बाज्जे पोंदा चोंदून दवरिल्लें. आलमार आसली, पूण रिकामी. एकूय पुस्तक नासलें आलमारींत. वण्टीवेलें जेजूचें

पांयजेल नासलें मात दुखेस्त चेऱ्याच्या सायबीण मांयचो वेंतभर पुतळो उकत्या मेजार दवरिल्लो आसलो. हो पुतळो आदींय थंयच आसलो. तेन्नाय तो दुखेस्त आसलो. पूण आतां तो शीलाक दुकां गळयनासतना रडटा कसो दिसलो. इतले दीस सिस्टर प्रिस्का त्या पुतळ्या आदारान जियेताली. आनी त्या पुतळ्याचें कितें? तो कोणाच्या आदारान जियेतालो? तो भावनाशून्य आसलो म्हूण ताका सजीवाची गरज नासली? तशें जाल्यार ते कुडींतल्या सजीवाक निर्जीव पुतळ्यांची गरजूच कित्याक पडली? सिस्टर प्रिस्का रात-दीस उठता बसतासतना त्या पुतळ्याकडेन उलयताली. सांगणें करताली, मागणें करताली. उपरांत तिचेर भावार्थ दवरून सुशेगाद न्हिदे सुवादीन जाताली. हें सगळें करता आसतना, घडटा आसतना कोण पिशी आनी कोण शाणी आशिल्ली? सिस्टर प्रिस्का काय सायबीण मांय? जर येदी व्हडली शिकिल्ली सवरिल्ली सिस्टर प्रिस्का शाणी आशिल्ली, तर तो पुतळो निर्जिव आनी पिसो बिल्कूल नासलो. सिस्टर प्रिस्का सांगाताक आसतना, तो पुतळो निश्चिंत आसलो. मागीर आतांच तो रडूंक कित्याक पावलो? हाचें कारण जो मेरेन सिस्टर प्रिस्का सुखान आसली, तो मेरेन सायबीण मांयक काळजी करपाची मातय गरज नासली. आतां सिस्टर प्रिस्का संकश्टांत पडल्या. मागीर सायबीण सुखी कशी आसतली? देव-भक्तांचें नातें तें, अशेंच आसतलें!

शीलाक आतां सिस्टर प्रिस्काविशीं कोणे कांयच सांगपाची गरज नासली. कुडींतलें वातावरण सायबीणीच्या चेऱ्याक जमतालें.

इतल्यान भितर गेल्ली माद्र ट्रे घेवन खोशेन भायर आयली. ट्रेंत केक घाल्ली बशी आनी टॉपकोलान भरिल्लो ग्लास सोबतालो. ट्रेंत घडी करून दवरिल्लो धवोफुल्ल आंगसोय आसलो.

''मादर, आमची सिस्टर प्रिन्सिपल खंय गेली तें सांगलें ना तुवें.'' शीलान तोंड रडकुरें करून प्रस्न केलो.

''तेंच तोर सांगोंक तुहां हायें इंगा आफोयलां. सिस्टर प्रिस्कानूच

सांगलेलें म्हाहां, तुहां सोगली फोबोर सांगोंक.''

हें आयकून शीला मात्शें चडच काचाबूल जालें. ताची उत्सुकताय वाडली. तेच बरोबर ताचें काळीज धडधडूंक लागलें. ताका दिसतालें मदरीन कळाव लाय नासतना सगळें सांगून मेकळें करचें.

''बाय शीला, सिस्टर प्रिस्का आतां प्रिन्सिपल म्हूण ह्या इस्कोलांत काम कोच्ची ना.'' माद्रीन शीलाक जाय तशेंच सांगून मेकळें केलें.

''कित्याक मादर, कितें जालें सिस्टरीक? बरी आसा न्हय ती?''

''व्होय-व्होय! ती फोर्त आहा. तियेची कोलकोत्त्याक ट्रांन्सफोर जाल्या.'' माद्र सहजतायेन उलयली.

''कितल्या तेंपाक मादर? रोकडी येतली न्हय ती परत?'' शीलान आकांतून प्रस्न केलो.

''नो माय चायल्ड, सिस्टर प्रिस्का आतां ह्या इस्कोलांत पोत्ती केद्नाच पांय दिवची ना.''

''केन्नाच पांय दिवची ना? कित्याक? अशें कितें केलां तर तिणें?'' शीला आतां रडपा देगेर पाविल्लें.

''तिणें ह्या इस्कोलाचें बोरें केलां. ह्या फुडेंय ती सोगल्यांचें बोरें कोरूंक चित्ताली. दुस्मानांक तें मानवलें ना.''

''देवाकूय मानवलें ना?''

''मानवलें तोर? देवानूच तोर तियेक इंगाच्या देंवचारां पासून पोयस धाडल्या.'' शीला तशें घट्ट काळजाचें. सट करून पिगळचें ना. पूण सिस्टर प्रिस्का ह्या स्कुलांत परत पांय दिवचीच ना हें आयकून ताचे दोळे दाटून आयले.

''हें स्कूल सोडटा आसतना तिका म्हजी मात्तूय याद जाली ना मदर?''

''ओहें कोहें म्होणटाय गो तूं शीला! तूं तियेक पोयसावता, हें चिंतुनूच दोन राती रोडोन काडल्यो तियेन. वोयचे आदीं तुहां ती तुजे घारा येवन भेटोंक सोदताली. पूण हायेंच आडायली तियेक. तुमहां तें

चोड जोड जावपाचें. एकामेका पसून पयसावो निर्माण जाता, हें चिंतुनूच तुमचीं कावजां तुटपाचीं. ओहल्या वोगतार तुमहां एकठांय ना हाडपाचें हायें चिंतलें. कारण तुमचे इश्टागतीचें बळगें माहांच कोवतालें.'' माद्रीन आपलें मन शीला मुखार अशे तरेन उक्तें केलें की थोड्याच उतरांनी खूब कितें समजचें. आनी फुडें चड भासाभास करपाची तांकां गरज पडची न्हय.

''मादर, उपकार करून म्हाका मात्सो तिचो नामो दिता?''

''ना, तुयें तेहा चीट बरोवची न्होय, ओहें माहां दिसता.''

''कित्याक मादर? हावें तिका चीट कित्याक बरोवंची न्हय?'' शीलान माद्रील्या मनांतलें जाणून घेवपाचो येत्न केलो.

''बाय शीला, कांय गोजाली फुडाराक वायटाक पोडोंक शकता. त्यो वोगतार कातरून उडयल्यार बोऱ्यो. तुमचे इश्टागोतींतल्यान वाडलेलो मोग मुहल्यार एक सोपोन आहलें. रातीक पोडलेलें सोपोन उजवाडाच्या किरणानीं तें पयस जावंक जाय. मोनशान तें विसरून वचूंक जाय. ना तोर मुनीस पिसो जावपाचे वाटेर आसता.

सिस्टर प्रिस्का तुजे मोगान पिशी जाल्या. ती तुहां कोहीच विसरोंक सोदिना. तियेन मोकोडल्यान उतोर जेहलां. सेमानांतसून एक फावट तोरी चिटयेंतल्यान फोबोर धाडूंक. हांव ती धाट्टेलींच. पूण तुयें तियेक विसोरचेंच पोडटोलें म्होजे धुये.

हो सोंवसार कोणा पासोत केन्नाच थामोना. देवान आमहां इंगा सोर्ग निर्माण करूंक धाडल्याय. फाटीं फुडें पोय नासतोना आमहां देवाचें काम कोच्चेंच पोडटा. सिस्टर प्रिस्का तेंच कोरूंक कोलकात्त्याक जेल्या. तूं तियेक चिटयो बोरोवन देवाच्या कामाक आडकोव हाडूं नाहां. हांव सांगतां तें आयक!''

देव, सर्ग, संवसार असलीं उतरां माद्रीच्या तोंडांत सोबतालीं. शीला त्या मानान खूब ल्हान आसलें. अशें आसुनूय शीलाक माद्रीलें तत्वगिन्यान समजलें. ती जें कितें मनांतसून सांगता तें आपल्या बऱ्या खातीर सांगता,

हें सत शीलाक पटलें.

“मादर, हांव तुज्या उतरा भायर वचना. आयज सावन सिस्टर प्रिस्काचे सुवातेर हांव हे सायबीण मांयक बसयतां.” अशें म्हणून ताणें सायबिणीच्या पुतळ्याचेर नदर मारली. येदो वेळ शीलाक सायबिणीचो चेरो रडकुरो दिसतालो तो आतां खिणाक हांसकुरो दिसूंक लागलो. माद्रीचें सांगणें शीलान मानून घेतलें म्हूण सायबीण मांय खोशी जाल्ली. आपल्या भक्तांचें बरें जाल्लें पळोवन देव-देवतांच्या मुखामळांचेर उजवाड पडून तीं फुलतात! हांगाय सायबिणीचे बाबतींत तशेंच घडिल्लें जावंये! अर्थात सायबीणमांयचो पुतळो मुळांत सावन आसूंक जाय तसोच आसलो. चलताले ते शीलाच्या मनाचे खेळ!

:२४:

मनशाक आपल्या जिवितांत खूबशो पायऱ्यो फुडें-फुडें वच्चें पडटा. वयाच्यो पायऱ्यो सैमीक आसतात. ह्यो कोणाचे मर्जेचेर आसनात. मनांत नासल्यार लेगीत त्यो सैमादेशांत हुपच्योच पडटात. पूण कांय पायऱ्यो अशो असतात कोणाच्या मनांत आसूं वा नासूं प्रसंगान उप्रासतात. तांकां उप्रासपाक वेळ-काळाची मेर नासता. तांकां कोण आपोवणेंय धाडिना आनी त्यो येवजणेन तयार केल्ल्योय आसनात. त्यो मनशाच्या जिवितांत अशे तरेन येतात की त्यो हुपून फुडें वचपाचें धाडस करिना जाल्यार यमकोंडांत पडचेली भिरांत आसता. ताका लागून पायऱ्यो कांट्या-खुट्यांनीं कितल्योय भरिल्ल्यो आसल्यो तरी तांकां तोंड दिवचेंच पडटा. कारण त्यो देवान धाडिल्ल्यो संदी आसतात. आनी ह्या संदींक लागुनूच मनशाचो जीवनाणभव दिशीं-दिशीं वाडत आसता.

सिस्टर प्रिस्का अकस्मात घर सोडून कलकत्त्याक गेली तेन्ना शीलाक दुख्ख जाल्लें. पूण उपरांत तें ल्हव जायत गेलें. ताका दिसलें आपल्या जिवितांत बदल घडटा. मनांत नवे-नवे विचार येवंक लागल्यात. हे आदीं ताच्या मनांत विचार ये नासले अशें न्हय, पूण ते विशीं मनांत

कसलोय दुबाव आयलो जाल्यार तें आपली आवय दुर्ग्याकिडेन चर्चा करतालें आनी उपरांत सिस्टर प्रिस्काकडेन आपलें मन मेकळें करतालें. पूण आतां मात मनांत कसलोय कठीण प्रस्न उप्रासलो तर ताचेर स्वतंत्रतायेन विचार करून आपणे स्वत: निर्णय घेवंचो, अशें ताका अंतस्करणांतल्यान कोण तरी उलो मारून सांगतालो.

शीलान येवजिल्लें, मॅट्रीक जातकच माद्रील्याच उच्च माध्यमिक शाळेंत फुडलें शिक्षण घेवचें. पूण आतां ताणें आपलो इरादो बदल्लो. सिस्टर प्रिस्काचेर स्कूल सोडून वचपाचो जे संस्थेन प्रसंग हाडलो, ते संस्थेंत फुडलें शिक्षण कित्याक म्हूण घेवचें? चलयांच्या स्कुलांत बायलोच बायलां आड वावुरतात थंय कित्याक म्हूण चलयांनी शिक्षण घेवचें?

खरें म्हणल्यार शीलान कॉन्वेंट स्कुलांत शिकचें हो ताच्या आवय-बापायचो निर्णय आसलो. कित्याक तें कोणाक खबर नासलें. गिरेस्त मनशांलीं भुरगीं कोन्वेंटांत शिकतात हें एकच कारण ताच्या फाटल्यान आशिल्लें जावंये. पूण प्रत्यक्षांत जें पालकांक जाय, जे भुरग्यांक जाय तें संरक्षण दिवंक शकना त्या कॉन्वेंट स्कुलांत शिकचे परस, ना शिकिल्लें बरें, अशे विचार ताच्या मनांत घोळूंक लागले. इतलेंच न्हय, तर माद्रील्या स्कुलांत आतां राम उरूंक ना म्हूण ताणें ताका राम राम करपाचो निश्चेव केलो.

मॅट्रीकेची परिक्षा दिले उपरांत आता शीलाक सगळेकडेन मेकळें-मेकळें दिसूंक लागलें. तशें दिसपाचें ताका कारण नासलें. हेर भुरग्यांवरीं ताचेर परिक्षांचीं चेपणां केन्नाच आयलीं नांत. सगळ्याच विशयांत ताची प्रगती उत्तम आसली. ताका लागून आपली धूव खूब शिकची, अशें दुर्ग्याक मुळांत सावनूच दिसतालें. पूण काशीबायचे तकलेंत मात वेगळेंच शिजतालें. ती आतां मरूंक पाविल्ली. पूण संवसाराची आस तिका कशीच सोडी नासली. मॅट्रीक पास जाल्या उपरांत जाता तितले वेगीं शीलाक लग्न करचें आनी आपल्याक पणतूचें तरी तोंड पळोवंक मेळचें,

अशी मनांत इत्सा बाळगून झरत-मरत जगताली ती! मात आपल्या मनांतलें उलोवन दाखोवंक अनमनताली. कारण ह्या आदीं नातवाचो हट्ट धरून तिणें स्वताचें हाशें करून घेतिल्लें, हें ती विसरूंक नासली. खूब कितें करूनय देवान लेगीत तिचें कानामनार कांयच घेवंक नासलें.

तरी ती गप्प बसली जाल्यार काशीबाय कसली? घरांत लागसाराक कोण ना तें पळोवन, बशिल्लेकडेन रावन तिणें दुर्ग्याचेर दावखूल उबारलेंच-

"सूनबाय!"

"कितें आई?" दुर्ग्यान तत्परतेन जाप दिली.

"हांव कितें म्हणटां..."

"कित्याविशीं आई!"

"शीलाची अंदू मॅट्रीक न्हय?"

"हय. परिक्षा दिल्या ताणें. बऱ्या मार्कांनी पास जातलें तें. कदाचीत स्कुलांत पयलेंय येवपाची शक्यताय आसा. प्रिन्सिपलीन आदींच उलोवन दाखयलां."

"तें हांव नकळ तर! म्हजीच नात ती. हुशार आसतलीच." काशीबायन फुकटें श्रेय आपल्याकडेन ओडून घेतलें.

"तें तर जालेंच. पूण आतां तुमचें म्हणणें कितें आसा?"

"हांव कितें म्हणटां...."

"शीलाक फुडें शिकून कितें करपाचें आसा, अशेंच न्हय?"

"म्हजे मनांतलें तुका कशें कळ्ळें गे?"

"तुमचीच सून न्हय तर हांव? शीला तुमची नात तशी हांव सून! हुशार बायल मनशेच्या सांगातान घोळिल्लीं मनशां हुशारच आसतलीं न्हय?" काशीबाय लेचीपेची नासली. सुनेच्या उलोवण्याक तिका तोकासांवाचो वास आयलो. तरी सुनेचेर तुटून पडपाचो हो वेळ न्हय, हाची जाणविकाय तिका जाली. काळ-वेळ पळोवन मारतें व्हरपाची कला तिका बेसबरी खबर आसली. तिणें आपलें घोडें फुडें धांवडायलें-

‘‘तुमचे मनांत कितेंय आसूं बाये, पूण म्हाका मात तशेंच दिसता. म्हजे नातीन शिकपाक आयुश्य घालोवंचे परस, वाडवडलांनीं जोडून दवरिल्ल्या गिरेस्तकायेचें सूख उपभोगचें. ना तर कितें करपाचें आसा येदे व्हडले गिरेस्तकायेचें?’’ येदो वेळ झेमत बशिल्ले काशीबायक उलयतना खंयच्यान नेट आयलो तिकाच खबर.

‘‘तुमचे गिरेस्तकायेची काळजी घेवपाक तुमचो पूत ना तर? म्हजे चलयेच्या माथ्यार वजें कित्याक तें? म्हजें चली हुशार आसा. ताका शिकपाची आवड आसा. ताका शिकपाची इत्सा आसा तो मेरेन शिकूं दी ताका. हे बाबतींत कोण्णाक लुडबूड करूंक दिवची ना हांव! सांगून दवरतां!’’

दुर्गें अशे तरेन फणफणलें की काशीबायन ह्या फुडें केन्नाच शीलाच्या शिक्षणाचो विशय काडचो न्हय.

पूण काशीबाय ती! दुर्गाचे फणफणे तिच्या पथ्थ्यार पडले. खास करून, ‘शीलाच्या शिक्षणाबाबतींत कोण्णाक लुडबूड करूंक दिवंची ना.’ हें वक्तव्य तिका साप्प मानवलें ना. ती आसा तितली ताकत एकठावण ताणशेली-

‘‘तूं शिक्षणाच्यो व्हडव्हिको म्हजे मुखार गांव नाका गे! तूं शिकूं ना? तुजो आवय-बापूय शिकला, तुजो भाव शिकला. ताणीं तुमचे घरार कितलो उजवाड घाला तो हांव पळेना? ना घर ना दार! तुजो बापूय रेफमार्द जावन गांवांत गेलो. तो थंय आपलें जिवीत कशें सारता हाची खबर मेळ्ळ्या म्हाका. आतां उरले संस्कार. तुजो बापूय लोकांच्या भुरग्यांक बरे संस्कार दिता, आनी तुजो भाव कितें करता? तुजो भाव लोकांक कसली देख दिता?

आनी तूं गे? सुर्वेक तूं म्हजे मुखार नमतें घेताली. तेन्ना म्हाका दिसतालें, तुजे आवय-बापायन तुका बरे संस्कार दिल्यात. धन-दौलतीन भोपळो जावं, हेरां भशेन सासूमांय मुखार तकली वयर करून, वयले सुरान उलयना तितलें पुरो. पूण आतां म्हज्या गात्रांत त्राण ना तें पळोवन,

दिशीं-दिशीं तुजे जिबेचो तोल सुटूंक लागलो मगे!''

काशीबायन खूब दिसांचो राग दुर्ग्याचेर एके फावटीन काडलो. ती अशिक्षीत आसूं, पूण उलोवंक कोणाक बदची ना! इतलो तेंप तिका सून-पुता वांगडा दीस काडूंक जाय आसले. ताका लागून ती नमतें घेताली. पूण आतां तिचे मरणाचे दीस लागीं पावताले. सुवार्थ जागो जातालो. निमणे वेळार तरी सुवार्थ सादोवन घेवचो म्हूण कोणाची पर्वा करी नासतना आपल्याक जाय तशी ती बडबडूंक लागिल्ली. तेलाचो दिवो पालवच्या वेळार भगभगता, तशी काशीबाय आता भगभगूंक लागिल्ली.

खरें म्हळ्यार दुर्ग्याचे बाबतींत ती जें कितें उलयली तें तितलेंशें खरें नासलें. दुर्ग्यान सासूकडेन वागतना शीम केन्नाच हुपली ना. पूण आपले चलयेचे शिक्षणाचे बाबतींत मात तें कोणाकडेन तडजोड करूंक शकनासलें. ताका लागून दुसरो पर्याय नाशिल्ल्यान तें काशीबायकडेन इल्लें कडक वागलें इतलेंच.

जंय सून-मांय आसता थंय किजिलसांव उक्तेपणान वावुरलेंना आसलें तरी खंयी कोनशाक बसून संदीची वाट पळेत आसता. दुर्गे कशीबायकडेन कितलेंय बरे तरेन वागलें तरी आत्रे-पयऱ्यान, चड करून शीलाचे बाबतींत धुसफूस जातालीच. पूण काशीबाय केन्नाच दुर्ग्याल्या आवय-बापायचेर पावनासली.

मात आयज तिचो तोल सुटलो. गरजे भायर तिणें दुर्ग्याच्या बापायचे संस्कार वयर काडले. भावाविशीं ती जें कितें उलयली, ताचें दुर्ग्याक मातूय वायट दिसलेंना. ताची चाल-चलणूक हालीं बिगडत वताली. एका चारित्र्य संपन्न गुरूजीचो पूत असो तो वागनासलो. दुर्गे ताका उक्तेपणान विरोध करतालें आनी दीस-रात खंती जातालें.

पूण आवय-बापायक दुशणां दिवन काशीबायन दुर्ग्याचें काळीज दुखयलें. तरी सगळें सोंसून दुर्गे गप्प बसलें. ताका जाय जाल्यार ताच्यान झगडीं वाडोवं येतालीं. पूण हांगाय ताका आपल्या बापायन आपल्याचेर

केल्ल्या सुसंस्कारांची याद जाली. आपले कृतीन ताणें काशीबायक थंच्या थंयच जाप दिली. कुल्लेचीं दांगटां मोडून कुल्लेच्याच हड्ड्यार घालीं.

आवय-आज्जेमदलो वाद शीला भायर आडसाक रावन, कान दिवन आयकतालें. हे आदीं घरांत कोणा मदें- चड करून आवय-आज्जेमदें - वाद उप्रासलो जाल्यार तें पयस रावतालें. दुर्ग्यानूच सांगिल्लें ताका तशें करपाक.

पूण आतां मात शीलाच्या लक्षांत आयलें, की आपली म्हातारी आजी किजिलसांव करता ती आपल्याक लागून. तिका खोरजता एकेकडेन आनी ती खरपिता भलतेचकडेन. आपले आवयकडेन ती मनांतलें उक्तेपणान उलयना. मात शेजाऱ्यांकडेन आनी आयिल्ल्या गेल्ल्यांकडेन आपल्या लग्नाच्या विशयाची आवडीन रवंथ करता. ती आपल्या फुडल्या शिक्षणांक विरोध करता ती आपल्याक लग्न करपाक हाची पुराय खात्री शीलाक आता जाल्ली.

शीलान आतां चिंतलें, घडटा तें पळोवन ओग्गी बसल्यार घरांत आपल्या आवयचो घुस्मटमार जातलो. तो थांबयतलो जाल्यार आपणें फुडें येवन स्वताच निर्णय घेवंचो पडटलो. आपली आजी आपल्याक आनी आपले आवयक घरांत सुखान जगूंक दिवची ना.

हातुंतल्यान पळवाट म्हूण शीलान आपल्या मामागेर रावन फुडलें शिक्षण घेवपाचो निर्णय घेतलो.

:२५:

अपेक्षेप्रमाण शीला मॅट्रीकेक बऱ्या गुणांनी पास जालें. बोर्डाकूय ताचो नंबर आयलो. पूण आवय-बापाय कडच्यान ताची फाव तशी तोखणाय जाली ना. बापायक तर तें बरे गुणांनी पास जालें कितें आनी साद्या मार्कांनी पास जालें कितें, कांयच फरक पडपा नाशिल्लो. ताका शारांत, राज्यांत मान आसलो तो दुडवांचे गिरेस्तकायेक लागून. ताका तो तितलोच पुरो आसलो.

दुर्ग्याक खोशी जाल्ली. पूण तें पास जाता तेन्ना ताच्या बापायक गुरूजीक-जाताली तसली न्हय. कारण दुर्गें आतां मध्यमवर्गीय उरूंक नासलें. गरिबांचो आनी मध्यमवर्गीयांचो - आपल्या भुरग्यांक शिक्षण दिवपाचो खास असो उद्देश आसता तसो गिरेस्तांचो आसना. ताका लागून लक्ष्मीपुत्रांच्या दारांत विद्वानांक मान-सन्मान मेळटाच अशें नासता.

आपूण स्कूलांत पयलें आयलां बी म्हूण शीलाक तशें व्हडलेंशें कांयच दिसनासलें. दुर्ग्याकूय तशेंच दिसतालें जावंये! ताका आपले धुवेची ताकत खबर आशिल्ली. असल्या ल्हान-सान गजालींनी भुरकुटून वचप दुर्ग्याक माननासलें. दुर्ग्याक दिसतालें, ही तर आपले धुवेची सुरवात आसा. फुडें ताका खूब कितें करून दाखोवपाचें आसा. तरी ताणें आपली खोशी उक्तावपा खातीर, घरच्यांच्या आनी शेजाऱ्यांच्या आनी येत्या-वत्यांच्या हातार एकेक दूदफेणो दवरलोच.

अशें जरी आसलें तरी शीलाक येदें व्हडलें येस मेळिल्ल्याचें आयकून सगळ्यांत व्हड खोशी जाल्ली ती ताचे मामीक!

आतां ही मामी आनी मदेंच खंयच्यान आयली? शीलाच्या जिवितांत जितलीं म्हूण बायलमनशां झळकलीं, तातूंत हे मामीक चड म्हत्व आसा. तिणेंच ताका खरी दिका दाखयल्ली!

एक उत्कृश्ट शिक्षक म्हूण नामना मेळयल्या उपरांत, गुरुजी-दुर्ग्याचो बापूय-सेवा निवृत्त जाल्लो. ताका सेवानिवृत्तीचो फायदोय भरपूर गावलो. आरोग्यानूय ठणठणीत आसलो तो. म्हातारपणान स्पर्श करूंक नासलो ताका. जाय जाल्यार मडगांवांतच एक बरोसो धंदो उबारूं जातालो ताच्यान. मडगांवांत ताच्यो वळखीय उण्यो नासल्यो. ताच्या फाटल्यान धंदो सांबाळपाक ताचो पूत भास्कर आसलोच!

पूण ताणें तशें केलें ना. आपूण सेवानिवृत्त जालो, आपलें कार्य सोंपलें. दुडवां आशेन नवें कार्य सुरू करप गुरूजीचे दिश्टीन म्हा पाप! उरिल्लें आयुश्य देशसेवेक ओंपपाचें आसता अशें गुरूजीक दिसतालें.

सरकारान जर ताका पेन्शन दिवंक नासलें, तर मात तो दुसरो धंदो करपाक मेकळो आसतलो आसलो. सरकारान ताच्या पोटाची वेवस्था मरसर केल्ली. ताका लागून ताणें आपल्या मूळ गांवांत वचून घरकान्नी वांगडा शांतकायेन जिवीत सारपाचो निश्चिेव केलो.

गुरूजी शार सोडून वतना ताका दुर्ग्याची काळजी नाशिल्ली. ताका काळजी आसली ती आपल्या पुताची–भास्कराची. आपल्या दोगांय भुरग्यांनीं खूब शिकून शिक्षणीक मळार नामनां मेळोवचीं, अशी गुरूजीची इत्सा आसली. पूण भास्करान ताचो अपेक्षा भंग केलो. दोन वेळां सायन्स बारावेक नापास जावन तो तिसरे वेळां जेमतेम पास जाल्लो.

तरी गुरूजीन ताका, वेवस्थापनाकडे उतर घालून लॅब असिस्टन्टचो जॉब मेळोवन दिलो. शारांतलें बिराड पुता सुवादीन करून गुरूजी कायमचो आपल्या गांवांत वचून रावलो.

मात गुरूजीचे दिश्टीन एक समाधानाची गजाल घडली. आपल्या घराब्याक फावता तशी सून ताणें पारखून काडली. भास्करानूय फाटलो–फुडलो विचार करिनासतना, व्हडलेंशें ताणून धरी नासतना बापूय सांगता ते चलयेकडे दोळे धांपून लग्न जालो. ते शिवाय ताचेकडे दुसरो पर्यायूच नासलो. तसो दिसूंक हॅण्डसम आनी स्मार्ट आसलो. पूण एका शिक्षकालो अर्द शिक्षीत तरणाटो. शारांतली सुंदर आनी स्मार्ट अशी खंयची चली ताचेकडेन लग्न जातली? तो जर ग्रॅज्युएट जावन सरकारी नोकरे फाटल्यान लागिल्लो तर ती मेळोवपाक ताका व्हडलीशी अडचण पडची नासली. आनी पेजाद नोकरेच्या नेटार तो आपले आवडी–निवडीचो विचार करूंक शकतालो. पूण कोल्या बुद्‌दीच्या भास्करान आसा ती परिस्थिती ते वेळार तरी मानून घेतली. फुडलें फुडें पळोवया म्हूण भायल्यान सादी–भोळी आनी काकूबाय दिसपी निर्मलाकडेन संवसार करपाचें थारायलें.

निर्मल एक नांवां प्रमाणेच निर्मळ मनाचें भुरगें. गरीब घराब्यांतलें हुशार आनी देखणें. आवय–बापायचे बरे देखीन वाडिल्लें. घरची परिस्थिती खूब वायट आशिल्ली. बापूय एका पायान कुल्पाद. आवय

सदांच वायटकान्न. ताका लागून बुद्द तीख आसुनूय इत्se प्रमाण शिक्षण घेवंक जमलेंना निर्मलाक.

गुरूजील्या-भास्कराच्या बापायल्या-स्कुलांत हावा-शिवा करून सातवी मेरेन शिक्षण घेतलें ताणें. आठवेंत शिकतां-शिकतां मदेंच ताणें शाळा सोडली.

खूब दीस जाले. निर्मल शाळेंत येना. तशीं खूबशीं भुरगीं मदींच शाळा सोडून वतात. सरकारच्या नेमाप्रमाण भुरगीं शाळेंत हाजीर रावलीं ना जाल्यार, तांचीं नांवां शाळा पटयेवेलीं पुसून उडयतात.

पूण निर्मलाचे बाबतींत मात तशें घडलें ना. तें सातत्यान शाळेंत गैरहाजीर रावता हें गुरूजीच्या लक्षांत आयलें. दुसरें खंयचेंय भुरगें जाल्यार गुरूजी ताचे गैरहाजीरीकडेन लक्ष दिवंचो नासलो. पूण निर्मलान आपल्या सद्‌गुणांनी गुरूजीचें मन आपल्याकडेन ओडून घेतिल्लें. आपलो गुरूजी मायेस्त आनी दयेस्त आसा. आपल्या बरे गुणांची तोखणाय करता. फाव तेन्ना शाबासकी दिता. पूण हेर भुरग्यांकडेन मेकळेपणान उलयता तसो तो आपल्याकडेन उलयना हाची निर्मलाक खंत भोगताली.

निर्मलाचेर नदर पडना फुडें गुरूजीच्या मनांत कळटां न कळटां निर्मलाविशीं खाशेले अशे विचार घोळटाले. शिकपी भुरग्यांच्या मनाचो विचार करप हें बऱ्या शिक्षकाचें लक्षण आसता. निर्मलाची अभ्यासांतली दिसान दीस जायत आशिल्ली प्रगती पळोवन गुरूजी अजापीत जातालो. अजापीत जावपाचें कारण आशिल्लें, निर्मलाची अनपेक्षीत प्रगती. ताच्या वर्गांतलीं तें सोडून सगळीं भुरगीं घटमूट, तरतरीत, उलोवपाक इस्पेर्त, हांसून खेळून वेळ घालोवपी. पूण शिकपाक निर्मलाक लागपी न्हय. हाचे उलट निर्मल पळोवंक सामकें मेंगें, सदांच चिंतेस्त आनी दुखेस्त. अशें आसुनूय शिकपाक सगळ्यांहून हुशार. असल्या भुरग्यांक गुरूजी कसो विसरत?

‘‘आगो विनंती हांगा यो गो!’’

‘‘कितें गुरूजी?’’ विनंतीन धांवून येवन गुरूजीक प्रस्न केलो.

"तुजे म्हऱ्यांत तें निर्मल बसतालें न्हय गो?"

"हय गुरूजी! ताणें सोडलें इस्कोल!" विनंतीन निर्शेल्ल्या भशेन जावन जाप दिली.

"सोडलें? किंत्याक गो, बरें बी ना काय कितें? हरशींय जाल्यार तें रोगें-रोगेंशें दिसतालें."

"ना गुरूजी. तेका कांय जावं ना. इस्कोल सोडून तें सोसायटींत सिर्विसेक लागलां. कदेलार बोसोन बिलां बरोवपाचें आनी म्हयनो जातकच पांचशें रूपये घेवपाचे."

"निर्मल सर्वीस करता? कित्याक गो? आवय-बापूय ना तर ताका?" गुरूजीन उत्सकतायेन प्रस्न केलो.

"आसा गुरूजी. बापूय घरांत मोडोन पडला."

"आनी आवय?"

"आवय आसा. घुडांतली कोंबी कशी रवाणेक पडोंन!"

"विनंती, तशें म्हणनात." गुरूजीन विनंतीक धपकायलें.

"म्हागेली आये म्हणटा म्होणोन हांव म्हण्टां. तेगेर एक धाकटो बाबू आसा. तेका दुदाक पयशे खंयच्यान हाडटली? म्हागेले आयेन सांगलें तिका आपल्या वांगडा शेतांत कामाक यो म्हणोन. दिसाक पोन्नास रूपये पूण मेळटाहले. पूण ती बामीण न्हू! शेतां वोसोन सुद्रां वांगडा काम कशी करतली?"

हें सगळें विनंती उलयनासलें. विनंतीली आये आनी हेर वांगडी उलयतालीं. आनी तातूंत फटीचें कांयच नासलें. विनंतीली आवय शेतांत नण्णी खंयीं पावूं, कण्णो हालोवन दिसाक कचकचीत पन्नास रूपये घेताली. निर्मलाचे आवयनूय तशें केल्लें जाल्यार तिका म्हयन्याक देड हजाराची जोड जावपाची. भुरग्याक दूद मेळपाचें. शीत ना जाल्यार पेज्जे निवोळ तरी ताळ्यार पडपाचो सगळ्यांच्या! निर्मलाक इस्कोल सोडून पांचशें रूपयांची सर्वीस करची पडची नासली. पूण एकवीसाव्या शेकड्यांतय निर्मलाच्या घराब्याक जात आड येताली. आनी ताका

लागून एका हुशार आनी कर्तुबी भुरग्याचो बळी वतालो.

विनंतीच्या उलोवण्यावेल्यान निर्मलाच्या घराची परिस्थिती गुरूजीच्या लक्षांत आयली. जातीची प्रतिश्ठा राखपा खातीर खूबशा बामणांक खाणा-जेवणांक वळवळे काडचे पडटाले. आयजय परिस्थिती पुराय बदल्लेली दिसना. ती बदलपा खातीर एकाद्रो जातभाई ना तर जातभाईंची संघटणा फुडें येत शी दिसना.

गुरूजीचीं पावलां आतां आपशींच निर्मलाच्या घरा दिकेन वळ्ळीं. एकाद्रया जातभाईचो घराबो दुख्खांत पडला ताका आदार दिवंक न्हय, तर एका हुशार आनी सुसंस्कृत भुरग्याची वाट लागता ती ताच्यान पळोवंक नजो म्हूण. हुशार आनी सुसंस्कृत नागरीक ही देशाची गिरेस्तकाय. आपल्याच्यान जाता जाल्यार, एका तरी बुदवंताचो - तो मागीर जावं ल्हान वो व्हड -उपेग करून घेवंचो असो विचार गुरूजीच्या मनांत आयलो.

निर्मल खंयचे सोसायटींत काम करता, हाची गुरूजीन पयलीं चवकशी केली. घराकडेन वचनासतना निर्मलाचो सोद घेत तो सरळ सोसायटींत गेलो. निर्मल कामांत गूंग जाल्लें. गुरूजी टेबलाकडेन उबो रावन केदो वेळ ताका पळेत रावलो. निर्मलान जेन्ना कामांतल्यान तकली वयर काडली, तेन्ना ताच्या मुखार साक्षात देव उबो आशिल्ल्याचो भास जालो. आपलो गुरूजी सामकारा उबो आसतना, आपणें बसून रावंक फावना हाचें मातूय भान उरलें ना निर्मलाक. गुरू-शिश्या केदो वेळ एकामेकांकडेन पळेत रावलीं. खिणभर तीं वेगळ्याच संवसारांत वावुरतालीं. पूण हो नवो संवसार तांचो सांसणाचो नासलो.

निर्बोध निर्मला जेन्ना भानार आयलें, तेन्ना ताणें खिणांत आपल्या गुरूजीच्या पांयार घालून घेतलें. येदो वेळ ताठ मानेन काम करीत बशिल्ल्या निर्मलाची तकली कोणे तरी गुरूजीच्या पांयांचेर ओमथीली आनी ताच्या तकलेंतल्या वझ्ऱ्याक उमाळो येवन तो दोनूय दोळ्यां वाटांनीं गुरूजीचीं पावलां भिजोवंक लागलो.

गुरूजीन निर्मलाचीं पवित्र दुकां चड वेळ आपल्या पावलांर गळूंक

दिलीं ना. ताणें ताका उठोवन आपले वेंगेंत घेतलें. ताच्या केसांवयल्यान गुरूजीचे हात आपशींच भोंवंक लागले. गुरूजीच्या दोळ्यांकय आपशींच पाझर फुटलो. काळजांत निर्मल्ल्या दुकांक थांबोवंक गुरूजी आपल्या दोळ्यांक बांद घालूंक शकलो ना. हां, ताणें आपल्या दोळ्यांतल्या दुकांक भळभळीत मात व्हावूंक दिलीं ना. तांकां थेंब्यांचें रूप दिवन त्या थेंब्यांक निर्मलाच्या माथ्यार टपटपायले. गुरू-शिश्याच्यो कुडी वेगळ्यो आशिल्ल्यो, काळजां वेगळीं आशिल्लीं, दोळे वेगळे आशिल्ले पूण दोगांचेंय दुख्ख मात एक आसलें. दोगांय समदुख्खी आसलीं तीं! तांच्यामदें नात्याचो कसलोच धागोदोरो नासलो. हें सगळें घडटालें तें मनीसपणाच्या नात्यान!

"गुरूजी, म्हाका शिकूंक जाय!" निर्मलान मनगटान दोळे पुसीत, काकुळटेन इत्सा उक्तायली.

"जालेंच. तूं सोमराच्यान स्कुलांत यो."

"खरेंच गुरूजी?"

"हय, खरेंच!"

"पूण तें कशें शक्य आसा?"

"कित्याक शक्य ना?"

"आनी म्हजो आई-बाबा? तांचें कशें जातलें? हांव शाळेंत आयलें जाल्यार आमकां दुडू कशे मेळटले? सोनुल्याक दूद कशें मेळटलें?"

"ताची काळजी तूं करूं नाका. सगळें वेवस्तीत जातलें. हांव आसां न्हय?" 'हांव आसां न्हय?' हें विधान आयकून निर्मल अजापीत जालें. गुरूजीच्या तोंडाकडेन तें मात्शें पळेत रावलें. असलीं धिराचीं उतरां तें पयलेच फावट आयकतालें. आवय-बापायच्या तोंडांतल्यान तर असलीं उतरां ताणें केन्नाच आयकूंक नासलीं. ह्या फुडेंय आयकुपाची शक्यताय नासली.

गुरूजी संस्थेंतल्यान सेवानिवृत जाल्लो खरो, पूण वेवस्थापनांत

ताका अजून मान आसलो. ताचें उतर झेलून घेवपी चडशे वांगडी आसले त्या वेवस्थापनांत.

गुरूजीन कळाव केलो ना. ताणें संस्थेच्या अध्यक्षाची भेट घेतली. एक हुशार भुरगें गरिबकायेक लागून शाळा सोडून घरा बसलां ही गजाल ताणें अध्यक्षांच्या कानार घाली. आनी निर्मल एस्. एस्. सी. जाय मेरेन ताका म्हयन्याक साडे सातशें रूपये शिश्यवृत्ती मेळची अशी वेवस्ता करूंक लायली.

गुरूजी इतलेंच करून थांबले नांत. निर्मलाक त्या स्कुलांत शिकता आसतना गणवेश, पुस्तकां आनी हेर कितें लागता ताचो सगळो खर्च ताणें आपल्या माथ्यार घेतलो.

निर्मलाविशींची गुरूजीन दाखयल्ली तळमळ देवान पळेल्ली जावं ये! गुरूजी सेवा निवृत्त जावन आपल्या गांवांत गेलो. पूण तो निर्मलाक विसरलो ना. स्कूल वेवस्थापनाच्या लक्षांतय निर्मल उरलें. कारण निर्मलाची प्रत्येक हालचाल कोणाच्या लक्षांत उरऽ सारकीच आसताली.

निर्मलाची परिस्थिती लक्षांत घेवन आनी ताची हुशारी पळोवन वेवस्थापनान मॅट्रीक पास जाल्या उपरांत निर्मलाक त्याच स्कुलांत क्लार्काची नोकरी दिली.

निर्मलाक फुडें वाव मेळिल्लो जाल्यार, तें डॉक्टर-इंजिनियर जावपाचे लायकीचें आशिल्लें. ताचे गूण आनी हुशारी पळोवन कोणूय ताका मजत करूंक शकतलो आसलो. कोणूय कित्याक? गुरूजीच तें काम करूंक शकतलो आसलो. पूण निर्मलाक चड गरज आसली नोकरेची!

शाणे मनीस सदांच सुवार्थ आनी परमार्थ सादोवन घेतात. निर्मल हें गुरूजीच्या आपशींच हाताक लागिल्लें मोलादीक माणीक आशिल्लें. तें सोडून दिलें आनी ताची पारख करिनासतना कोणेंय ताका आपणायलें जाल्यार? नशिबान बरो मनीस वाट्याक आयलो जाल्यार बरें आसा. ना तर पोराचे हाल जावंक कळाव लागचो ना.

गुरूजीन चिंतलें. शक्य आसल्यार निर्मलाक आपलीच सून करून कित्याक घेवची न्हय? भास्कर शिकपाक हुशार ना जालो म्हूण कितें जालें? निर्मला वांगडा संवसार करपाक तो उणो पडचो ना. आवयन संस्कार केल्यात ताचेर. ते भायर एकाच स्कुलांत चाकरी करतात दोगांय. कमायेचे बाबतींत कसलीच अडचण ना.

गुरूजी एक दीस आपल्या मनांतली येवजण घेवन निर्मला म्हऱ्यांत गेलो. ताचें मत्त घेवनूच ताच्या आवय-बापायकडेन वच्चें, अशें थारायल्लें गुरूजीन.

"बाय निर्मल, हांव एक येवजण घेवन तुजेकडेन आयलां. तुका पट्टा आनी मानता जाल्यारूच हयकार दिवपाचो. कसलीच जबरदस्ती ना."

"सांगात गुरूजी. तुमी म्हज्या हिताचोच विचार करतले. हाची म्हाका खात्री आसा."

"तूं म्हगेल्या भास्कराक वळखता. एकाच स्कुलांत काम करतात तुमी दोगांय. तुका आमच्या घराची सून करून घेवंची अशी आमची इत्सा आसा. इत्सा, अर्थात म्हजी आनी म्हजे घरकान्नीची. हाचेर तुजें कितें मत्त आसा हाचो सवकासायेन विचार करून सांगपाचें."

भास्कराचो पुराय सभाव निर्मलाक खबर नासलो. ताणें जाणोवन घेवपाचो केन्ना प्रयत्नय केलो ना. ताची ताका गरजूय नासली. आनी आतांय ताका भास्कराविशीं कसलीच खबर जाणून घेवची अशें दिसलें ना. तो गुरूजीचो पूत, इतलेंच ताका पुरो आसलें. गुरूजीचो हो बेत आयकून हरवें सोदतल्याक पिकें गावल्यावरी निर्मलाक जालें. तें असहाय्य आशिल्ल्याची भावना ताच्यांत नासली. तें काळजान बळिश्ट आसलें. मनान निश्चयी आसलें. धीट आनी संयमी आसलें. आपलें हीत कित्यांत आसा, हाची पारख करूनूच पावल उखलपी भुरगें तें. पूण हांगा फाटलो-फुडलो कसलोच विचार करी नासतना, गुरूजीचो बेत मनांतल्या मनांत 'सा' करून तें मेकळें जालें.

अशे तरेन निर्मल शीलाची मामी जाली. गुरूजीचें मन पळोवन देवान ताका सौख्यधन दिलें अशें म्हणूंक जाय. माणकां-मोतयां, भाटां-बेसां आनी भांगरा-शिंगरांचे गिरेस्तकाये परस शालीनताय, नमळताय, सोशीकपण आनी बुदवंतकाय, हे गूण मनशाक सदांच वयल्या पावंड्यार व्हरून बसयतात. निर्मल तर ह्या सगळ्या गुणांची खाण! मागीर गुरूजीक आनी कसली गिरेस्तकाय जाय आसली? पुताचो संवसार जाग्यार उडोवन, घरकान्नी वांगडा तो आपल्या गांवांत गेलो आनी थंय समाधानान रावंक लागलो.

:२६:

"**माँ**, हांव म्हजें नांव बार्तलोमेव कॉलेजींत घालूं मगे?" शीलान आपले आवयक प्रस्न केलो. तो आयकून दुर्ग्याक कच्च जालें. तें भेंडाचो आंगसो ओडून ताका हात पुशीत शीला म्हऱ्यांत आयलें.

"कितें म्हणटालें गो बाय?" दुर्ग्यान शीलाचो प्रस्न आयकूंक ना ते भशेन केलें.

"म्हाका बार्तलोमेव कॉलेजींत वचनशें दिसता."

"कित्याक गो बाये, माद्रींलें हायर सेकंडरी आसा मुगो."

"आसूं. म्हाका थंय ह्या फुडें शिकनशें दिसना."

"कित्याक तें तरी कळूं दी म्हाका!"

"सगळीं कारणां सोदीत बसूं नाका गे माँ! हां म्हण आनी मेकळी जा. आतां हांव ल्हान आसां गे? बरें-वायट कळूंक लागलां म्हाका."

"तें कळटा गो म्हाका. पूण कसलेंय तरी कारण आसूंक जाय न्हय? आनी तें कारण तुज्या माँ क कळ्ळें जाल्यार कितें बिगडचेलें आसा?"

"आसा बिगडचेलें. पीपी असली राजकारणी टिचर आसा ते संस्थेंत म्हाका शिकन शें दिसना."

"टिचर पीपी हायस्कुलांत शिकयता, आनी तूं आतां हायर

सेकंडरींत शिकतलें मुगो.''

''खंयी शिकलें म्हूण कितें जालें, मॅनेजमेंट एकच आसा न्हय गे? ज्यो माद्री आपलेच माद्रीक न्याय दिवंक शकनांत आनी राजकारण्यांक भिवन आपल्या कर्तव्याकडेन दुर्लक्ष करतात, थंय आनी कितें उरलां गे?''

''राजकारणी बार्तलोमेव कॉलेजींत पावचेनात तर?'' दुर्गे शीलाक अशें विचारूंक सोदतालें. पूण आपले धुवेकडेन तिणें चड ताणून धरलें ना. तरी आवयचें काळीज तें! चली भुरग्याचे बाबतींत निश्चिंत कशें रावत? ताची जीब भितरले भितर ओंठां वांगडा खेळूंक लागली. निमणें तिणें आपल्याक जाय तें केलेंच.

''तूं कितेंय सांग बाय, संवकळीचें स्कूल सोडून तुवें शारा भायर स्कुलांत वचप हें समा न्हय, अशें म्हजें मन म्हाका सांगता बाये! ते भायर माद्रीलें स्कूल निव्वळ चलयांचें आनी हे तुगेले नवे कॉलेजींत चलयां वांगडा चलेय शिकतात. नाका-नाका तें आयकूंक येता बाये कॉलेजींतल्या तरणाट्यांविशीं. कितेंय जावं तुजे आड येना हांव. मात ड्रायवरा वांगडा गाडयेन वच आनी गाडयेन यो.''

''गाडयेन वचूंक हांव हांगा खंय रावतलें तर?''

''म्हणजे गो बाये! हांगा रावचेंना जाल्यार खंय वतलें तर तूं?'' दुर्ग्यान अजापीत जावन प्रस्न केलो.

''हांव मामागेर वतलें. मामाल्या दारांतल्यान बस वता ती बद्द कॉलेजीच्या स्टॉपार थांबता.''

शीलालो हो निर्णय दुर्ग्याक मानवलो. दुर्ग्याक शीला आपल्या म्हऱ्यांत सदांकाळ जाय आसलें. पूण जो मेरेन काशीबाय घरांत आसा, तो मेरेन दुर्ग्याक आनी शीलाक तिची कटकट आशिल्लीच. दुर्गे आपले सासूचें सगळें सोसूंक तयार आशिल्लें. पूण शीलाल्या शिक्षणांक काशीबाय आडमेळें हाडल्या बगर कशीच रावची ना, हाची पुराय खात्री दुर्ग्याक आसली. ताका लागून शीलाचो मामागेर वचून शिकपाचो निर्णय

दुर्ग्याक मना पासून आवडलो. शीलान ह्या निर्णयान आज्जेचें मन दुखयलें, पूण ताका उपाय नाशिल्लो.

शीलाची अजून पुराय वाड जावंक नाशिल्ली. तरी ताचे पिरायेच्या हेर भुरग्यां परस चड परिपक्वताय आयिल्ली ताच्यांत. आयिल्ली म्हणचे परस ताणें ती मुजरत प्राप्त करून घेतिल्ली. थोड्याच भुरग्यांक ह्या संवसाराचें गिन्यान प्राप्त करून घेवपाची खर इत्सा आसता. शीलाक ती आसली. ताकाच लागून, ताचे संगतीक जो-जो कोण आयलो, ताच्या सभावाचो ताणें पुराय नियाळ केलो. ह्या नियाळाक लागुनूच शीलाचें एक खाशेलें मन तयार जालें. ह्या मना वांगडाच ताचें खाशेलें अशें व्यक्तिमत्वय तयार जालें.

भुरग्यालें फुडलें आयुश्य बरें वतलें जाल्यार, ताच्या जल्मा वेळार घरांतलें वातावरण शांत आनी मंगलमय आसचें पडटा आनी नासलेंय जाल्यार घरांतल्या जाण्ट्यांनीं तें मुजरत तयार करचें पडटा. पूण शीलाचे बाबतींत तर घरांत गणेश पुजेकूच कुसको नाल्ल फुटलो. आवयच्या उबेंतल्यान भायर पडटां- पडटांच आज्जेच्या मेंदवांतल्यान फांकारिल्ल्या विखाळ किरणांनी शीलाचें जिवीत दिशीं-दिशीं जें दुशीत जायत गेलें, तें हो वेळ मेरेन तशेंच उरलें. ह्या विखाळ वातावरणांतल्यान भायर सरपाची वाट ताणें स्वता तयार केली.

आयज मेरेन शीलाच्या जिवितांत झळकल्लीं मनशां, बऱ्यां वांगडा वायटय आशिल्लीं. तातूंत सुवार्थी काशीबाय आशिल्ली. आपले धुवेचेर काळजांत सावन माया करपी आनी भायल्यान आपले मांयक बरें दिसूंक जाय म्हूण ताचेर वयले वयर रागार जावपी दुर्गें आशिल्लें. मोगाळ-मायेस्त राणू गुरूजी आशिल्लो. अपुरबाय करपी आवयले वटयांचीं आजी-आजो आशिल्लीं, विचारांक सारें-उदक घालपी सिस्टर प्रिन्सिपल आसली. ते भायर शीलाच्या सामकाराक केन्नाच येंवनाशिल्लीं कितलींशींच मनशां-सिस्टर प्रिस्काचो आवय-बापूय, आजो आजी जांणीं आपल्या बायलां-भुरग्यांचेर अत्याचार केलो, तांकां

गरजे भायर दुख्ख भोगयलें त्या सगळ्यांचो आयकल्लो अणभव गांठीक बांदून शीला आतां आपल्या मामागेर गेल्लें, नवजीवनाची सुरवात करपाक. नव्या मनशांच्या सोदाक, इतलीं वर्सां घरपांजऱ्यांत जाल्लो घुस्मटमार पयस करून उकत्या मळबांत उडपाक!

:२७:

निर्मल आयज खोशेन भरिल्लें. भाची येवपाची आशिल्ली ताची आयज! तशी ती हे आदीं आत्रे-पयऱ्यान चड करून शेनवार-आयतार धरून-येत आशिल्ली. आता-आता मामीचे ओडीन चड येवप-वचप जातालें शीलाचें. तरी आदल्या आनी आताच्या येवपांत बरेंच अंतर आशिल्लें. आदलें येवप रोकडेंच वचपाचें आसतालें. आयज शीला निदान दोन वर्सां तरी रावंक आयल्लें मामागेर. निर्मलाक खोशेन भरपाक मुखेल कारण हेंच आशिल्लें.

जेन्ना मामी-भाची एकठांय येतालीं-घटकाभर लेगीत जावं मागीर-तेन्ना तांचें बेसबरें जमतालें. ताचें कारण आसलें तांचें वय आनी सभाव. दोगांयच्याय वयांत व्हडलेंशें अंतर नासलें. शीला आतां पंदरा वर्सांचें आसलें. आनी निर्मलाक जाल्लीं जावंये बावीस-तेवीस वर्सां. तरी निर्मल शीला परस व्हडलेंशें जाण्टें दिसनासलें. कॉलेजींतल्यो इश्टीणी कशो दिसतालीं तीं दोगांय. शीला मात्शें झेतार आनी निर्मल भायल्यान बावळट!

“निर्मल, तुवें शीलाक हांगा आफयलां खरें, पूण तिगत मुगो तें हांगा?” भास्करान आपले परिस्थितीचो विचार करून प्रस्न केलो.

“ना तिगूंक कितें जालां तर? भाची ती तुजी आनी म्हजीय बी! गिरेस्त बापायली धूव जाली म्हूण ह्या कुडाचो तिरस्कार केलोना ताणें केन्ना. म्हजो अणभव तरी ताचे विशींचो हेंच सांगता. आनी दुसरी गजाल म्हळ्यार शीलाचे आवयचो जल्मय ह्याच कुडांत जाला काय ना? गिरेस्तकाये वांगडा गरिबकायेचें इल्लें तरी वारें रिगलां ताचे कुडींत.” निर्मलान आपल्या घोवाक खरेले परिस्थितीची जाणविकाय करून दिली.

मात भास्करान ती ह्या कानांतल्यान आयकून त्या कानान सोडून दिली. गरीब आवयच्या उदरांत जल्म घेवन, मनांत गिरेस्तकायेची आस बाळगून वावुरपी भास्कराक निर्मलाचें मन कळूंक कठीण आसलें. ताका निर्मलाचें दिसतालें तें तन, मन न्हय!

"तशें न्हय गो निर्मल, पलासेवरी घरांत रावन आयिल्ली म्हजी भाची, ह्या कुडांत जमोवन घेतली काय ना, हाचो दुबाव लागता म्हाका." भास्कर अपराधी भावनेन, सहजतायेन उलोवन गेलो.

"तुका दुबाव लागता जायत. पूण म्हाका म्हजे भाच्चेविशीं कसलोच दुबाव लागना. एक गरिबाली धूव गिरेस्तालें घर उजवाडा हाडूंक शकता तर गिरेस्ताली धूव गरिबकायेन कित्याक जगची ना? मनाशान मनांत हाडल्यार तो खंयीं दीस काडूंक शकता. शेकीं सूख आनी दुख्ख हें मानपाचेर आसता. म्हजे भाच्चेचो सभाव बेस बरो पारखीला हांवें. ल्हान वयाचेर लेगीत वारें येता तशें सूप धरूंक कळटा ताका."

निर्मल आजीमाय कशी उलयलें. भास्करान मात आयकूंक जाय म्हूण आयकलें. तो निर्मलाची कसलीच गजाल गंभिरतायेर व्हरनासलो. दुसऱ्यालें मोन्यानीं आयकुचें आनी सूख मेळटा थंय धांवचें, अशी वृत्ती आशिल्ली भास्कराची. निर्मलूय आपल्या मनांतलें भास्कराक उलोवन दाखयतालें, पूण आपली प्रत्येक गजाल ताणें मानून घेवची असो हट्ट मात निर्मलान आयज मेरेन केन्नाच घेतलो ना.

मामा-मामी आपलें मन एकामेंकाकडेन उक्तायतालीं. तांचे दोळे मात भाच्चेचे वाटेकडेन लागून आशिल्ले. भाचीच आशिल्ली ती तांची. कोण मंत्री-स्वामी-बिमी न्हय, न्हेसून-सजून, दोळ्यांत तेल घालून स्वागताक उबीं रावपाक! अशें आसलें तरी मामा-मामीचे दिश्टीन शीलाची प्रतिमा तांकां सूखदिणी आसली. शीलाच्या प्रत्येक उतरांत, प्रत्येक हालचालींत आनी हांसऱ्या मुखामळांत सूख आनी धादोसकाय जाणवताली. फक्त ताच्या मामा-मामीकच न्हय, तर काशीबाय सोडून हेर कोणाकय!

व्हडल्या मनशांक येवकार दिवपाचो स्वागत-सुवाळो हो वयलेतरांचो आसता. व्हडले मनीस वाजत-गाजत येतात आनी तशेच वतात. तांचो येवपा-वचपाचो उद्‌देश कोणाचेर तरी प्रभाव घालपा खातीर आसता. तातूंत काम जालें वैज मेलो म्हणपाची भावना चड आसता.

पूण माये-मोगाच्या मनशांक येवपाक इल्लो तरी वेळ जालो, तर प्रतिक्षा करपी मनशांच्या मनाक एकसारके चिमटे येत असतात. निर्मलाचीय तीच गत जाली. पूण ती चड वेळ तिगली ना. वाऱ्यावरी धांवपी एके रिक्षेन अकस्मात भास्कराल्या दारांत ब्रेक मारलो आनी पंजाबी भेसांतली एक लांब-रूंद बायल रिक्षेंतल्यान देंवली. सुर्वेक निर्मल शीलाक पळोवन दचकलें. पूण उपरांत शीला वांगडा खोशेचें वारें चारूय वाटांनी घरांत शिरलें!

पयलीं शीलाक पळोवन निर्मल गडगडीत पायऱ्यो देवून रस्त्यार गेलें. उपरांत भास्कर! दोगांनीय शीलाक माये-मोगान येवकार दिलो. शीला नाका-नाका म्हणटा आसतना, मामा-मामीन शीलालें बॅग आनी हेर सामान, शीला खातीर खासा तयार केल्ले कुडींत व्हरून दवरलें.

शीला आपल्यागेर आयिल्ल्याची चड खोस निर्मलाक जाल्ली. हाकाय एक मुखेल कारण आशिल्लें. हेर मामा-मामी आपले अपुरबायेचे भाच्चेक आपल्यागेर रावंक आपयतात तशें शीलाक हांगा कोणें आपोवंक नाशिल्लें. शीला आपले गिरेस्तकायेक फाट करून मामीचे ओडीन आयिल्लें. ही गजाल निर्मल आनी दुर्गाक खबर आशिल्ली. खरेलें सूख हें गिरेस्तकायेंतूच आसता, अशें तीं दोगांय मानूंक तयार नासलीं! अशें आशिल्लें जाल्यार शीला झगझगांतल्यान काळखांत येवन रावचें नासलें.

निर्मलान शीला खातीर आठ दीस आदींच कूड सजोवन तयार केल्ली. कूड सजोवन तयार केल्ली म्हणचे परस, 'घर सजोवन तयार केल्लें.' अशें म्हणप उचीत जातलें. कारण लोकांचे दिश्टीन गुरूजी कुडांत रावतालो. मात गुरूजीक तें मातूय मान्य नाशिल्लें. कारण तांचे

दिश्टीन मनशां रावता तें घर! तें मागीर चुडटांचें घर आसूं ना जाल्यार माती कालोवन थापून केल्लो घूड!

गुरूजीलें घर ल्हान आसलें तरी तें सुव्यवस्थीत आशिल्लें. घरमालकाचे मान्यतायेन आपल्याक फाव तसो बदल घडोवन हाडिल्लो त्या घरांत. गुरूजी गांवांत वच्चे पयलीं जे कुडींत रावतालो, तीच कूड शीलाक दिल्ली निर्मलान! ते कुडींत अजून वण्टींचेर गुरूदेव टागोर, स्वामी विवेकानंद, महात्मा गांधी, वीर सावरकरांचीं चित्रां लायिल्लीं आशिल्लीं. आपले घरा शीला टीव्ही-फोन आनी सगळ्या तरेच्या ऐश-आरामाची वेवस्ता आशिल्ल्या विशाळ घरांत वावुरतालें. थंय ताका सगळें मेळटालें, मेळनाशिल्ली ती मन शांती. हांगा ती दिवंक जनेला भायर-मात्सो पयस एक चंपक आपले धवेफुल्ल दांत दाखयत उबो आसलो.

ती आसली जुनाची वीस तारीख. मीर्ग सोंपून धा-बारा दीस फाटीं पडिल्ले. पावसाक त्या दिसांनी चडूच नेट आयिल्लो. दीसभर मळबांत काळीं कुपां दाटून मिरयतालीं. पावसाच्यो दडको आपल्या मनाक येता तेन्ना धर्तरेर उडयो घेताल्यो. ताका लागून गांवांतल्यो न्हंयो-बायों उप्पाट भरून तृप्त जाल्ल्यो. आठ दिसां पयलीं उकाड्यान त्रस्त जाल्ले शारकार आतां पंख्यांक सुसेग दिवन, दारां-जनेलां बंद करून घोग्यांच्या पावसाचें सूख घेताले.

राज्यांतल्यो सगळ्यो उच्च माध्यमीक शाळाय ह्याच दिसा म्हळ्यार जुनाचे वीस तारखेकूच सुरू जाल्ल्यो. शीला आयज आपल्या राबित्यापसून कॉलेजी मेरेन बशीनूच गेल्लें. हे आदीं तें स्वताचे गाडयेन ड्रायव्हरा वांगडा स्कुलाक वतालें, आयज पयलेच खेप तें बशींतले गर्दैतल्यान आनी उपरांत पडट्या पावसांतल्यान भिजत कॉलेजी मेरेन गेलें.

आयज जर पावस नासलो, तर कॉलेजी मुखार भुरग्यांची जात्रा भरतली आशिल्ली. इकरावेच्या पयल्या दिसा भुरगीं उमेदीन भरिल्लीं

आसतात. धावी मेरेन गणवेश घालून आयिल्लीं भुरगीं आतां आपले मर्जे प्रमाण मुस्तायकी चडोवन कॉलेजींत येतात. चडशो गिरेस्तांल्यो चलयो जीन पँट आनी शर्ट घालून, पयल्या दिसा कॉलेजी भायर मिरयतात. पूण ही संद तांकां पावसान आयज दिली ना. जीं भुरगीं आपापल्या गाडयांनी आयिल्लीं, तीं पावस सरऽ मेरेन गाडयांनी बसून राविल्लीं. जीं बसींनीं आयिल्लीं , तांचो मात कॉलेजींत पावता म्हणसर भिजून थापो जाल्लो. शीलाचोय आसपाव तातूंत आसलो.

नशिबान शीलाक वांगड दिल्लो. तें पंजाबी भेसांत आसलें. आंगलटीन मोटें आशिल्ल्या कारणान सत्री ताचो देह सुको दवरूंक कशीच शकनासली. वारो आनी पावस वांगडाच लागिल्ल्यान शीला आपल्याक ओलसाणेपसून कशेंच वाचोवंक शकनासलें. मात शादूर शीलान आपली ओडणी गुटली करून हातांत घेतली. आसनस्थ जावंच्या पयलीं ताणें आपले ओडणीचो उपेग तुवाल्यावरीं करून घेतलो. शीलान जर हेरांभशेन जीन पँटीचो वापर केल्लो तर सगळें उदक ताका आंगार सुकोवन घेवचें पडटलें आसलें. भारतीय मुस्तायकेचें म्हत्व ह्या वेळार शीलाक कळून आयलें.

अकरावेचो वर्ग आतां पुराय भरिल्लो. चले-चलयो मेळून सत्तर-अयशीं भुरगीं आशिल्लीं त्या वर्गांत. जणेकल्याक डॅस्का सयत एकोडो बांक आशिल्लो बसपाक. पंख्यांची वेवस्था दाटायेन केल्ली आशिल्ली. ताका लागून शीलाक आपूण भिजिल्ल्याचो मात्तूय त्रास जालो ना. ताच्या आंगावयली पातळ आनी मोलादीक मुस्तायकी दोन-तीन मिण्टांनीं सुकून सळसळीत जाली पंख्याच्या वाऱ्यान. कांय मिण्टां पयलीं पावसान चिप्प भिजून आयिल्लें तें चली हेंच काय आनी कोण, अशें ताका आदीं पळयल्ल्या कोणाकूय दिसतलें आशिल्लें. हेर चले-चलयोय पावसान भिजून आयिल्ल्यो. पूण तांच्यो दाट कापडी जीन पँटी तांकां आपापल्यो सुवातो सोडूंक मेकळीक दिनासल्यो. ताका लागून वर्गांतल्या चडशा भुरग्यांक शीलाची तोखणाय करिनशी दिसताली. पावसा दिसांनीं आपूण

जीन पँटी चडोवन आयिल्ल्याचो पश्चतापूय तांचे चेरे दाखोवन दिताले! कांय चल्यांक तर तांच्या आज्या-पणज्यांच्या पुडव्या-वाल्यांची याद जाली. वाले-पुडवीं न्हेसून वत-पावसांत वावरून सोंपिल्ले आपले जाण्टेले शाणे आशिल्ले, काय पावसान भिजून पचपचीत जाल्ल्या जीन पँटींचें उदक आंगार सुकोवपी आतांचे पोरांटे शाणे, हाचो विचार करीत ते बशिल्ले.

कितेंय जावं, कॉलेजीच्या पयल्याच दिसा, शीला आपल्या वांगड्यांक प्रेरक थारलें. आपल्या वागपान ताणें वांगड्यांक विचार करपाक लायलो.

भायर एक सारको पावस कोसळत आसलो. वर्गांतलीं चडशीं भुरगीं धास्तावल्लीं. प्रोफेसर स्टाफ रुमांत बसून चकाटां मारताले. पावस असोच पडत रावलो जाल्यार लेक्चर्स सुरू जावपाचीं चिन्नां दिसनासलीं. कॉलेज मदेंच सोडून दिलें जाल्यार घरा वचप अडचणीचें आसलें. थोड्यांक एक-देड मेरेन कॉलेजींत बसून रावचें पडपाचें. एका पयलीं तांकां व्हरूंक गाडी येवपाची शक्यताय नासली.

शीला मात पुराय समाधानी आसलें. पावसान भिजप ताका आदीं सावन आवडटालें. सदांच गाडयेन भोंवपी शीलाक आयज आयतीच संद मेळिल्ली पावस-वाऱ्या वांगडा झुजपाची! झुजल्या उपरांत यश मेळिल्ल्याची खोस तें एकटें बसून घेतालें.

पावस सोडून भुरग्यांचे खोसयेक बादा हाडपी आनीक एक गजाल घडिल्ली वर्गांत. गजाल उबगणीची आशिल्ली, तरी ती भुरग्यांच्या फायद्याची आशिल्ली. हांगा भुरग्यांक बसपाची वेवस्ता वेगळी आशिल्ली. आदल्या स्कुलाभशेन दोन बसकांचे बांक नासले हांगा. एकोड्या भुरग्याक बसपाचे एकोडे बांक, एका फाटल्यान एक अशे अयस-पयस मांडून दवरिल्ले. ताका लागून भुरग्यांचें एकामेकाकडेन उलोवप जायनासलें. गरजेन उलोवचेंच पडलें जाल्यार दोगां भितरल्या एकट्याक आपली सुवात सोडून दुसऱ्या म्हऱ्यांत वचचें पडटालें. पूण

आयज तशी गरज पडतशी दिसनासली. कारण आयज अकरावेच्या वर्गांत येवन बशिल्लीं चडशीं भुरगीं एकामेकाक वळखनाशिल्लीं.

अशें आसलें तरी वर्गांतल्या बऱ्याच चलयांची नदर भोवन-भोवन शीलाकडेन वळटाली. शीलाचें व्यक्तिमत्वच तांकां ओड लायणें आशिल्लें. तांकां दिसतालें, अचळय उठचें, शीला म्हऱ्यांत वच्चें. ताका 'हाय' करचें. ताचेकडेन वळख करची. मागीर इश्टागत जमोवन हाडची. पूण तशें करपाचें धाडस मात कोणाक जायनासलें.

चल्यांचीय हालचाल चलयां भशेनूच आसली. फरक इतलोच की चलयांची नदर सरळ शीलाकडेन वळटाली तर चले भीत-भीत ताका चोरून पळेताले.

शाळा-कॉलेजां जावं ना तर हेर सभा-मेळावे जावं. एकठांय जाल्ल्या मनशांमदें एक-दोन तरी मस्ते आनी वांकडे नदरेचे मनीस सापडटाच! ह्या वर्गांतूय एक गोरोपीट्ट, रूंद चेऱ्याचो, घारशा दोळ्यांचो, गुडगुड्या नाकाचो, मिशाळो भुरगो बसून आशिल्लो. सगळ्यां भुरग्यांमदें हुतहुतो आनी मस्तो आसलो तो. बांक एकोडो आशिल्ल्यान तोय एकोडोच बशिल्लो. ती ताका एकेतरेची ख्यास्तूच आशिल्ली. कोणाकडेन उलयनासतना, कसलीच हालचाल करिनासतना एके सुवातेर बसपाची संवय नाशिल्ल्यान एकदम बेजारिल्लो तो! असो कोण आशिल्लो तो राजबिंडो बाब? वर्गांतल्या सगळ्या चले भुरग्यांहून वेगळो?

तो आसलो धीरू कामत. गजेंद्राच्या-शीलाच्या बापायच्या तोलामोलाच्या गिरेस्तालो पूत. सर्वगुण संपन्न. कोणाचेरूय हात उखल्लो जाल्यार मारले बगर तो केन्ना सकयल काडलो ना ताणें. शिकतां-शिकतां णवेक-धावेक पावलो तेन्नाच क्लबांनीं-बारांनीं वचून नाचरंग करपाक कोमेस केल्लें ताणें. बरें सुंदरशें चली दिसलें जाल्यार ताचीं फकांडां केल्याबगर सोडलीं ना धीरून. ताच्या ह्या कुकर्माक लागून पोलिसांनी ताका कितले फावट कादयेंत घालो आनी बापायन ताका राजकारण्यांच्या वशिल्यान मोन्यानी सोडून हाडलो. मॅट्रीकेक तीन वेळां नापास जावन

आता तो अकरावेच्या वर्गांत येवन बशिल्लो. शिकूंक न्हय तर मजा मारूंक!

भायर आता पावस चडूच दाट जाल्लो. भुरगीं बसून-बसून कंटाळिल्लीं. कांय भुरगीं डेस्कार तकली तेकोवन वगत पासार करतालीं. शीलाची नदर प्रोफेसराचे वाटेकडेन लागून आशिल्ली.

इतल्यान एकदम फाटल्यान बसून आशिल्लो धीरू उठलो. बुटांचो टक् टक् आवाज करीत फुडें चलत रावलो. चलतना ताचे नदरेंतल्यान एकूय चली सुटनासलें. कांय चलयो ताका वळखताल्यो. ताचे प्रतापूय त्यो आयकून जाणां आशिल्ल्यो. पूण हांगा तांकां भिवपाचें कारण नाशिल्लें. धीरूची मोख आशिल्ली शीला!

धीरू आता शीला सामकारा येवन उबो रावलो. दोळ्यांचें काळें गॉगल काडून ताणें बुशर्टाच्या बोल्साक लायलें. ताच्या पिसुडलेल्या केसांनी आदींच कपल धांपिल्लें. तांबशा कापडाचेर धवशीं फुलां पितारिल्लो बुशर्ट आंगार चडयल्लो ताणें. धोलावेले दोन बुतांव घालून गॉला सकयले तीन बुतांव ताणें मेकळे सोडिल्ले. ताका लागून हड्डें काळ्या केसांनी दाटिल्लें दिसतालें. ह्या दाट केंसांतल्यान जाड-जूड राजू कशी भांगरा सरपळी धीरूले गिरेसत्तकायेचें दर्शन घडयताली. आपल्या केंसांचो कोर गोरे कातीकडेन जुळचो म्हूण ताणें माथ्याचे अर्दे केंस पिंगशे केल्ले. इतलेंच न्हय, तर चलयांक आपलो झेत दाखोवपाक ताणें दोनूय कानांच्या पाळयांक बट्टू तोपून ते मळसुदांनीं बसयल्ले.

आनी कोणूय चली जाल्लें जाल्यार धीरूचो हो अवतार पळोवन काचाबूल जातलें आशिल्लें. पूण शीला ताका धिटायेन पळेत रावलें. एक ल्हान भुरगें नरकासूराक पळेता तशें! धीरूक दिशिल्लें शीला आपल्याक पळोवन दचकतलें. पूण शीलाचो धीर पळोवन धीरूच ताच्या मुखार मोव पडलो. शीलाच्या दोळ्यांतल्या तेजान वागरें पडिल्ल्यावरी जालें धीरूचेर. तरी तो थंयच्यान हाल्लो ना. आपल्या निर्लज्जपणाचें प्रदर्शन घडयत तो केदो वेळ शीलाचो चेरो नियाळीत रावलो.

एका परपुरुशाच्या दोळ्यांत दोळे घालून पळोवपाची ही पयलीच खेप आसली शीलाची... दोळ्यांची ही भेट सहजतायेन घडूंक नासली. तर एक बैल मनशा रूपान येवन शीला मुखार कोरें करून उबो आसलो! जे भशेन एकाद्री चोरगाय शेताच्या अयस-पयस कोण ना अशी समजीकाय करून घेवन शेतांत घुसता, आनी शेतांत वाडिल्लो पाचवोचार चरवो दोळे धांपून खाता, तेच भशेन कोणाची पर्वा करिनासतना धीरूचे घारे दोळे शीलाचो रूपरस गटा-गटा पियेताले.

पूण कसलेय गजालीक मर्यादा ही आसताच. धीरू चड वेळ आपलीं आडांगपणा चालू दवरूंक शकलो ना. ताच्या आता लक्षांत आयलें, हें चली आपल्याक बदचेलें ना. हाचो नाद सोडिल्लो बरो. मात तशें करचे पयलीं ताका आपली मर्दानगी दाखोवंकूच जाय. ना तर तें समजतलें की आपले मुखार तो नरमलो. ते भायर वर्गांतल्या हेर चलयां मुखार आपलें हांशें जातलें तें वेगळेंच. वर्गांतल्या चल्यांचेरूय आपलो धाक बसचो ना. तेन्ना हांगच्यान कडसरचे पयलीं कसलेंय तरी नावरूप करूंकच जाय म्हूण तो फुडले बेताक लागलो.

धीरून शीलाचेर थिरायल्ली नदर आता वर्गांतल्या हेर भुरग्यांचेर वळयली. शीलाक थंयच सोडून तो चार पावलां फुडें सरलो, आनी पैलवानाचे चालीन तसोच फाटीं परतलो. भेंडार हात धरून शीला सामकारा अशे तरेन उबो रावलो की फुडें तो कितें करीत हाचो अंदाज कोणाकूच लागचो न्हय.

धीरूचे हे भिरांकूळ हालचालीन, एक शीला सोडून वर्गांतल्या सगळ्या चलयांचे चेरे सुकिल्ल्यावरी जाल्ले. शीलाचेर मात धीरूचो कसलोच परिणाम जाल्लो दिसनासलो. तें जागोर आनी दशावतार पळयल्ल्यावरी धीरूलें सवंग पळोवन धादोशी जाल्ल्यावरी आपले भाव चेऱ्यार दाखयतालें.

"हाय बेबी!" धीरून शीला म्हऱ्यांत येवन हात फुडें केलो.

"हाय!" शीलान बशिल्लेकडेन आसतनाच खोशेन जाप दिली.

“खूब क्यूट!” धीरून आपल्या केंसांचेर हात ओडीत म्हणलें.

“तूंय हिरो दिसता. तुजे ते पिंगशे केंस बरे सोबता तुका.”

हें आयकून धीरू खोशयेन भुरकुटलो. ताणें शीलाकडच्यान असल्या प्रतिसादाची अपेक्षा करूंक नासली. ताका दिसतालें, ही काकूबाय आपलेकडेन उलोवंकूच तयार आसची ना. पूण हें तर आतां आपल्या केंसांची आपखोशेन तोखणाय करूंक लागिल्लें. धीरूक आतां मूठभर मांस चडलें. हरवें सोदतल्याक पिकें मेळिल्ल्यावरीं जालें ताका. शीलाकडेन उक्तेपणान उलोवपाक अनमनपाची मातूय गरज ना अशी ताच्या मनाची आता खात्री जाली.

ताणें आता पुराय क्लासार आपली नदर भोंवडायली. संवयेप्रमाण आपल्या केंसांचेर हात भोंवडायलो. उपरांत शीला सामकारा झेतान उबो रावलो आनी शीलाक आपली वळख करूंक दिवंक लागलो. तीय गरज नासतना–

“हांव धीरेंद्र विष्णू कामत. म्हजी सगळीं गर्लफ्रेंड्स म्हाका धीरू म्हणटात.” ‘हाय’ अशें म्हणून ताणें आपलो हात फुडें केलो.

“हांव शीला गजेंद्र नायक.” शीलान हाय–फाय बी कांयच केलें ना. ताच्या बदला धीरूनूच परत एकदां ‘हाय’ केलें. पूण शीलान परतें तोंड उक्तें केलें ना. मात ताणें स्मित केलें. ह्या स्मितान धीरू आनीकूय फुल्लो. ताका दिसलें चलयो गिरेस्तकायेक भुल्लुसतात. ताचो अणभव ताका तेंच सांगी. शीलाय तशांतलेंच आसतलें, अशी ताणें स्वताची समजिकाय करून घेतली.

“म्हजे बापायचो व्हडलो बिजीनेस आसा ह्या शारांत.”

“म्हजे बापायलें तसलें कांयच ना.” शीलान आपली खरेली वळख मुजरत लिपयली.

“नो प्रोब्लेम! म्हज्या बापायन आनी आज्या–पणज्यांनी इतलें कमावन दवरलां की आमी हजार वर्सां जगलीं तरी तें खर्च करूंक जावचें ना.” धीरू अशे तरेन उलोवन मेकळो जालो की शीलाचें नातें ताचेकडेन

पक्कें जालां वा तें जावपाचें आसा.

अशे तरेन शीला-धीरूचें उलोवप बरोच वेळ चल्लें. शीला धीरूकडेन अशे तरेन उलयता तें पळोवन वर्गांतलीं सगळीं भुरगीं अजापीत जाल्लीं. सगळ्यांचे कान-दोळे शीला-धीरूवशीं लागून आशिल्ले. वर्गाचो पयलोच दीस आशिल्ल्यान कोण कोणाक वळखनाशिल्लो. तरी शीला उच्च आनी सभ्य घराब्यांतलें भुरगें, धीरू असल्या वायट मार्गाक लागिल्ल्या भुरग्याकडेन सलगी करता हें पळोवन वर्गांतलीं सगळीं भुरगीं अजापीत जालीं. तांकां दिशिल्लें शीला-धीरूली इश्टागत आता ल्हवू ल्हवू वाडीक लागतली आनी तातूंत बळी वतलो तो शीलाचो. कोणाक खबर, शीलाय तांतुतलेंच आसूं येता! दिसता सभ्य आनी रूपेस्त. असलीं भुरगीं भायल्यान सादीं-भोळीं दिसतात. पूण आसतात भितरले गांठीचीं. खूबशा मनशांच्या भेसावेल्यान आनी रूपावेल्यान अंतरमनाचें चित्र कोणाच्यान काडूं येना, अशें चडशा भुरग्यांचे आवय-बापूय आपल्या भुरग्यांक सादूर करपा खातीर घराकडे उलयतात. ह्या सुंदऱ्याच्या बाबतींतूय तशें घडटा जावंये! जावं कितेंय. आमकां कित्याक पडलां? करता तो भोगतलो म्हूण सगळीं भुरगीं आपापल्या विचारांत रमून गेलीं.

शीला कडल्यान मेळिल्ल्या प्रतिसादान धीरू आतां चड खोशी जाल्लो. ताका दिसलें, वर्गांत भुरग्यां मुखार आतां शीलाकडेन चड लागोळेपणा करपाची गरज ना. ताणें शीलाक 'हाय-फाय-बाय-बाय' करीत थंयच सोडलें. 'भायर मेळुया' अशें खोशेन म्हणत तो आपले सुवातेर वचून बसलो.

आतां सकाळच्च्या धा चो सुमार. भायर पावस आसरल्याचो भास. पुराय मळब काळें. भायल्यान भितर आनी भितरल्यान भायर येता म्हणसर केन्ना पावस कोसळत हाचो नेम नासलो. भुरगीं क्लासांत बसून-बसून उबगल्लीं. कोणाकूच क्लास सुरू जाल्लो नाका आसलो. जी गत अकरावेची तीच बारावेची!

एक अध्यापक हातांत रजिस्टर घेवन रूबाबान वर्गांत आयलो.

ताणें प्रिन्सिपलाचे वतीन, पयल्या दिसा निमतान भुरग्यांक येवकार दिलो. हजेरी घेतली आनी भुरग्यांक सोडून दिलीं. दोन मिनटांत अकरा-बारावेचे क्लास रिकामे जाले. पावसा पयलीं सुरक्षीत जावचीं म्हूण भुरग्यांनी धांवपळ केली. कांय भुरगे स्कुटरींनी आयिल्ले. बरेच सायकलींनीं. तर चार-पांच फोर व्हिलर गाडयांनी आयिल्ले. कांय भुरगीं बस स्थानकार सावन चलत आयिल्लीं. शीलाय तातुंतलेंच एक आसलें.

सगळीं भुरगीं सोडून धीरूचें लक्ष आसलें तें शीलाचेर. तें क्लासांतल्यान भायर केन्ना सरतलें, तें कशें आयलां, आता घरा कशें वतलें हाचेर बारीक नदर दवरून आसलो धीरू.

ताका आता कळ्ळें शीलाकडेन कसलेंच वाहन ना. ताणें पळेलें, शीला बस स्थानका दिकेन ताकतिकेन चलता.

येदो वेळ गाडयेंत बसून धीरू शीलाचे हालचालीचेर पाळत दवरून आसलो. ताणें आता गाडी स्टार्ट केली. गाडयेची गती वाडोवन तो शीलाच्या फाटल्यान गेलो आनी शीला मुखार वीसेक मीटर अंतराचेर ताणें आपली गाडी उबी केली. गाडयेंतल्यान खाला उतरून तो दार उक्तें दवरून शीलाची वाट पळेत उबो रावलो.

"मीस शीला, यो वेगीं. पावस येता."

"येवं दी पावस."

"भिजतलें."

"म्हजेकडेन सत्री आसा."

"तरी भिजतलें."

"भिजूं दी. म्हाका आवडटा भिजूंक." शीलान धिटायेन जाप दिली.

"तशें जाल्यार हांवूंय येतां तुजे वांगडा भिजत. म्हाकाय आवडटा भिजूंक."

"तुजी गाडी आसतना तूं कित्याक भिजतलो?"

"म्हाका तुजे वांगडा भिजत चलूंक आवडटा म्हूण!"

“आनी गाडयेचें कितें करतलो?”

“मागीर फ्रेंडा वांगडा येवन गाडी व्हरतलों.”

“हांव बस स्थानका मेरेन वतलें. थंय फ्रेंड गाडी घेवन आसतलो काय कितें?”

“बस स्थानका कडेन उबो रावन एक शिळोणी घाल्यार पुरो. दोग तरी फ्रेंड धांवून येतले.”

धीरू आपली बडाय सहजतायेन उलोवन गेलो, आनी शीला इल्लें चडूच चवकस जालें. ताणें फाटले–फुडल्यान वळून पळेलें. वळखिचो कोण दिसलो ना ताका. धीरूक न्हयकार दिवप म्हणल्यार ताची दुस्मानकाय ओडून घेवप! शीला शाणें. ताणें चिंतलें, प्रसंग वायट आसा. धीरूक दुखोवप समा जावचें ना.

शीला मुखार आता दोन पर्याय आसले. एक ताचे गाडयेंत बसपाचो आनी दुसरो ताच्या वांगडा भिजत बस स्थानकामेरेन चलत वचपाचो. पावस तर झडूंक लागिल्लोच.

शीलान धीरूकडेन पळोवन स्मित केलें आनी तें गाडयेंत वचून बसलें.

:२८:

एस्. एस् सी. जाल्या उपरांतचें शिक्षण कॉलेजींत घेवचें पडटा अशें आदले लोक मानताले. पूण हालीं तेंपार इकरावी–बारावीचो आस्पाव स्कूल पावंड्यार जाला. तरी पालकांक दिसता कीं आपलीं भुरगीं मॅट्रीके उपरांत कॉलेजींत शिकतात. भुरग्यांकूय आपूण कॉलेजीक पावल्यांत हाची खोशी भोगता. शीलाकूय आपूण शिक्षणीक मळावेल्या एका पावंड्या वयल्यान दुसऱ्या पावंड्यार वचून बशिल्ल्याची खोस भोगताली. ताकाय आपूण कॉलेजीक पावलेंशें दिसतालें.

पूण ताची ही खोशी पयल्याच दिसा विरजून गेली. ताका कारण आसलो धीरू. शीलाक धीरू भेटूंक नासलो तर ताचो पयलो दीस आनंदांत

वचपाचो. पूण घरांत पावल दवरलें तरी शीला माथ्यावयलें धीरूचें भूत खाला उतरूंक तयार नासलें. शीलाच्या चेऱ्यावयली उदासी प्रत्येक खिणांत वाडोवपाचें काम करतालें धीरूचें भूत.

कोणाकय दिसतलें, शीलान धीरूचें हें भूत आपल्या खांदार कित्याक बसोवन घेतलें? धीरू जेन्ना ताचेकडेन उलोवंक आयलो, तेन्ना तें ताच्या पसून पयस कित्याक रावलें ना? ताच्या भेसावेल्यान, ताच्या उलोवण्यावेल्यान-ताच्या नखऱ्यावेल्यान तें ताका वळखूंक शकलें ना? बऱ्या रेस्पेदाचें भुरगें तें! कित्याक केली ताणें ताचे कडेन सलगी? तें ताचे कडेन चड उलयलें म्हणुनूच तो ताका दसून रावलो. शीलान ताका एका उतरान 'शडाप' केल्लो जाल्यार तो ताका लागीं जावंचो नासलो.

शीला सोडून आनी कोणूय चली आसलें जाल्यार धीरूलीं लागोळेपणां पळोवन ताचेर माजरावरी फोसां घालतलें आसलें. वगतार दावकुलां लेगीत मारतलें आसलें.

ते वेळार वर्गांत हाजीर आशिल्लें एकान एक भुरगें अशे तरेचेंच आशिल्लें! मागीर शीलाच अशें कित्याक करूंक शकलें ना? ताकाय कारण आसा. शीला एक सभ्य घराण्यांतलें भुरगें. ही सभ्यताय ताची अडेची नाशिल्ली. ताच्या वाडवडलांनी कमायल्ली. आपले व्हडविकायेची पुराय जाणविकाय शीलाक आसली. ताका लागून केदींय व्हडलीं संकश्टां ताच्या मुखार उबीं रावलीं तरी तें आपली सभ्यताय आनी घराण्याची व्हडविकाय दोळ्यां आड करूंक शकनासलें. जो मेरेन आपल्यांतलें बरेंपण सांबाळूंक जाता, तो मेरेन सांबाळचें. प्रकरण हाता भायर वताशें दिसता तेन्ना मात मनशान सादूर रावंक जाय, असली शिकवण गांठीक मारून आशिल्लें तें!

शीला धाडसी आसलें. पूण धीरू धाडसी, तड्डकी आनी कपटी आसलो. आपल्या सुवार्था खातीर तो कितेंय करूंक शकता, ही गजाल आतां शीलाच्या हे मेरेन लक्षांत आयिल्ली. ताका लागून तें निर्शेल्लें. शीलाची ही निर्शेणी निर्मला पासून कशीच लिपून रावलीना. आपले

मामी मुखार सतत हांसत्या चेऱ्यान वावुरपी शीला आज कसल्या तरी चेंपणा खाला आसा, ही गजाल निर्मलाच्या लक्षांत आयलीच! ताणें कळाव करिनासतना शीलाक प्रस्न केलो-

"कितें जालें गो शीला? तोंड सामकें बावलाशें मुगो तुजें! जिवाक बरें बी दिसना काय कितें गो? सकाळीं भिजून आयलां तूं. आंग बी तापुना मुगो? तशें जाल्यार सांगूंक अनमनू नाका बाये!" अशें म्हणून निर्मलान शीलाच्या कपलाक हात लायलो.

"ना गे मामी! तूं बेटीच काळजी करता. कांयच जावंना म्हाका."

"कॉलेजीक पावलां म्हूण तकलेर ताण बी पडुना मुगो?"

"क्लास सुरू जावपाचे आसात अजून आनी ताण कसलो कपलाचो?"

"मागीर तूं इतलें त्रासीक कित्याक दिसता तर? हांगा आयिल्ल्याक आयजच पळेतां तुका हांव चिंतेस्त कशें!" शीलान चिंतलें, घरा आशिल्लें जाल्यार आवयक कितेंय दाखय-लिपय करूंक जातालें. हांगा कितलेंय जाल्यार परकें. मामा-मामी ताचे पालक जावन आसात. कितेंय बरें-वायट घडलें जाल्यार तीं जापसालदार आसतलीं. आनी घडिल्ली गजाल तांकां लिपोवन दवरली जाल्यार आपल्याचेर दोश येतलो. तेन्ना धीरूचे बाबतींत कॉलेजींत जें कितें घडलें, तें मामीक लिपोवन दवरप समा न्हय. तशें केल्यार तो आपल्याक सतायल्या बगर सोडचो ना. फाल्यां पावस आसूं वा नासूं, तो आपल्याक व्हरपाक गाडी घेवन बसथानकार आयल्या बगर कसोच रावचो ना, हाची खात्री आता शीलाक जाल्ली! ताका मामी मुखार तोंड उक्तें केल्या बगर दुसरो पर्याय ना सो दिसलो.

"मामी!"

"उलय गो बाय!"

"हो संवसार असोच आसता गे?"

"कित्याक लागून म्हणटा तूं अशें? मदेंच संवसाराचीशी याद जाली?" निर्मलान शीलाकडेन थीर नदरेन पळयत प्रस्न केलो.

“लोकांकडेन रितीन-सभ्यतायेन वागचें, अशें आमचीं वडील मनशां सांगतात.”

“जाण्टीं कितें सांगतात तें आमच्या बऱ्या खातीरूच सांगतात. पूण कोणाकडेन केन्ना कशें वागपाचें तें आपणें थारावचें आसता.” निर्मलान आपलो अणभव उक्तायलो. शीला चितूंक पडलें. ताका दिसलें, आपणें धीरूकडेन सरळपणान वागून चूक बी करूना मूं? ना. चूक कशी जातली? दुसरो कसोय आसूं. आपणें आपली सभ्यताय सोडूंक उपकरना. धीरू आपूण जावन उलोवंक आयिल्लो. ताका झिडकारप सभ्यतायेक धरून नासलेंच. ताच्या मनांतलो हेत घडये वायट आशिल्लो जावंये. पूण तो म्हाका कसो कळटलो? ताच्या भेसावेल्यान? तशें मानल्यार आयज वचत थंय चित्र-विचित्र भेसांत कितलेशेच लोक पळोवंक मेळटात. तांकां सगळ्यांक वायट म्हूण कुशीक मारचें पडटलें.

तरी शीलाचें मन धीरूविशीं साशंक जाल्लें. धीरू ताचेकडेन इश्टागत जोडूंक सोदता. धीरूचें ताचेर प्रेम आसा. ते खातीर ताणें ताका गाडयेंत बसोवन बसथानकार व्हरून सोडिल्लें. ताचे फाटलो हेत अजून स्पश्ट जावं नासलो.

धीरूचें हें प्रेम भाव-भयणीच्या स्वरूपाचें आसूंक शकता. आनी ताणें आपल्याक व्हंकल मानून आपल्याचेर मोग केलो तर? ताच्या मनांत तशें कितेंय आसल्यार मात, आपणें ताका दिल्ली सभ्यतायेची वागणूक आपल्याक म्हारग पडपाची शक्यताय आसा, अशें शीलाक आतां कळून आयिल्लें. ताणें आपल्या मनांतलो भंय उक्तेपणान उलोवन दाखयलो.

निर्मलान शीलापरस चार पावसाळे चड काडिल्ले. ताचो जीविताणभव पुस्तकगिन्यानाचेर आधारीत नासलो, तर तो प्रत्यक्षाणभव आसलो.

निर्मलान धीरू वांगडा घडिल्ली शीलाची गजाल कान लावन आयकली. निर्मल चड शिकूंक नासलें. तरी तें मागास विचारांचें नासलें. शीला मुजरत केन्ना चुकीचें वागचें ना, हाची निर्मलाक खात्री आसली.



तरी तें ल्हान आसा, जगाची रीत कळपाक ताका लोकांचें मन जाणोवन घेवपाची संद फाव तशी मेळूंक ना. तेन्ना तें कितलेंय शाणें आनी हुशार आसलें तरी ताका दुश्टां पासून सावध रावपाक दोन उतरां सांगपाची गरज आसा, अशें निर्मलाचें मन ताका सांगूंक लागलें.

''तुजें कांयच चुकलें ना गो शीला! बेटेंच खंती जावं नाका. तुजे सुवातेर हांव आशिल्लें जाल्यारूय तेंच करतलें आसलें. सुसंस्कारी मन दुसऱ्याक केन्नाच दुखोवंक सोदिना. धीरूकडेन इश्टागत करपाक तूं वचूं नासलें ताचेकडेन. तो जर तुजेकडेन आयलो, बरेभशेन उलोवंक लागलो. तर तूं ताका ओशमराद दिवन धांवडायतलें? आनी तशें केल्यार तें मनीसपण थारतलें गो?

आनी दुसरी गजाल. ताका जर तुजो वांगोड आवडटा, तुजेकडेन ताका इश्टागत करीनशी दिसता, तर तातूंत कितें वायट आसा, अशें म्हाका दिसना बाये!

हां, आनी एक गजाल तुगेली गोंदळांत घाली सारकी आसा आनी ती म्हळ्यार धीरून शिळोवण्यो घालून आपल्या वांगड्यांक एकठांय करप. हीं लक्षणां मात बाये म्हाका सभ्यतायेचीं दिसनात गो! ताका लागून, ताचेपसून सावध रावपाची शिटकावणी दिवची, अशें म्हाका दिसता.''

शीला कितलेंय धाडसी, नितळ आनी उकत्या मनाचें आसलें तरी तें चली भुरगें आसलें. ताच्यांतले ताकतीक मेर आसली. ते भायर ताणें आपली खरेली वळख धीरूक दिंवनासली. ते खंयच्च्या घराण्यांतलें, ताचो बापूय कोण, समाजांत ताचो दर्जो कितें, हाची पुराय खबर धीरूक आशिल्ली तर तो घडये शीलाकडेन नमळायेन वागतलो आसलो. निदान इतले लागीं तरी येवचोच नासलो.

''मामी, आतां कितें करपाचें? म्हाका बेटोच भंय दिसता गे!''

''भिंवन कसलोच फायदो ना. येता त्या प्रसंगाक तोंड दिवपाचे तयारेन रावंक जाय मनशान! फुडें संकश्ट येतलें म्हूण आदींच हात-पांय गळोवन उपकरता?''

“तशें न्हय गे. फाल्यां तो गाडी घेवन मुजरत बसथानकार आयलो जाल्यार कितें करपाचें?”

“तुवें गाडयेंत बसपाचें न्हय.”

“ताका विरोध केल्यार ताचें मन दुखवतलें. मागीर तो चाळवचो ना गे मामी?”

“तो चाळवतलो म्हूण तूं ताचे गाडयेंत बसतलें गो?”

हें आयकून शीलाक कच्च जालें. मामी कितें सुचोवंक सोदता तें ताच्या लक्षांत आयलें. केदो वेळ तें निर्मलाच्या चेऱ्याकडेन पळयत रावलें. निर्मला ताका सुचोवंक सोदतालें, ताचो हेत लक्षांत घे आनी वाग. धीरू जर सभ्य मनीस आसत जाल्यार तूं गाडयेंत बसलें ना जाल्यार तो तुजेर चाळवचो ना. तुजेर तो कसलीच जबरदस्तीय करचो ना. तूं जर धिरान वागशी जाल्यार खंयचोच धीरू तुका वांकडे नदरेक पळोवचो ना. केदोय व्हडलो धीरू धीर सोडून पळून वतलो.

शीलाची नदर निर्मलाच्या चेऱ्याचेर थीर जाल्ली आसतनाच, पुनवेच्या राती चंद्रिमावेलीं कुपां पयस जातकीर तो पुराय हांशिल्ल्या वरी दिसता, तशीच तरा शीलाची जाली.

“मामी तुज्या मनांतलें कळ्ळें म्हाका. ह्या फुडें केन्नाच म्हजो निर्शेल्लो चेरो तुका पळोवंक मेळचो ना. म्हजे प्रस्न हांवूच सोडयतलें.”

“म्हजी तुजे कडच्यान हीच अपेक्षा आसा. पूण एक गजाल लक्षांत दवर बाये!”

“कसली मामी?” शीलान उत्सुकतायेन प्रस्न केलो.

“तूं शाणें आसा हातूंत मातय दुबाव ना. पूण केद्‌याय व्हडल्या हुशार आनी ताकतवानाक दुसऱ्याच्या आदाराची गरज पडटाच. तेन्ना तुजेर कसलोय वायट-बरो प्रसंग आयल्यार, हे तुजे मामीक काळखांत दवरूं नाका! हांव आसां तुज्या सांगाताक.”

निर्मलाच्या धीरदिण्या उतरांनी शीलाच्या मनावयलो घयरांव पयस जालो आनी तें निश्चिंत जालें.

दुसरे दिसा मनांत कसलीच दुगदूग धरिनासतना शीला कॉलेजीक गेलें. पावस पडपाचीं चिन्नां दिसनासलीं. तें बशींतल्यान सकयल देंवलें. ताणें सज हेवटेन-तेवटेन नदर मारली. पळय जाल्यार एका झाडामुळांत धीरूची गाडी उबी आसा. गाडयेक तेकून उबो रावन धीरू शीलाची वाट पळयत उबो आसा. शीला ताचेकडेन पळयनासतना मान सकयल घालून आपले वाटेन चलत रावलें.

शीलान आपल्याक पळोवना अशें समजून धीरून रस्तीन हॉर्न मारलो. तरी शीला मान वयर काडिनासतना ताकतीन चलत रावलें. हॉर्न मारूनूय शीला आपल्याकडेन लक्ष दिना तेन्ना मारलें झक म्हूण आनी कोणूय जाल्यार थंयच्यान कूस मारतलो आसलो. पूण निर्लज्ज धीरून तशें केलें ना. तो बरोच वेळ गाडयेंत तसोच बसून रावलो. शीला आपल्याक मुजरत टाळता, ही गजाल ताच्या लक्षांत येवंक चड कळाव लागलो ना. ताका शीलाचो मनांतल्या मनांत खूब राग आयलो. तो ताचेर खंय आनी कसो काडचो हाचो विचार तो गाडयेंत बसून करूंक लागलो.

दुसरे वटेन शीलाचेंय मन मुसकां मारिनासलें. तें धीरूविशींच विचार करतालें. धीरू जर बऱ्या मनाचो भुरगो आसत, तर तो आपल्या फाटल्यान लागचो ना. आयला ते वाटेन परत वतलो. आनी जर तो असभ्य-तवनास आसत जाल्यार आपली फाट सोडचो ना. खरें म्हळ्यार शीला एके तरेन धीरूची परिक्षाच घेतालें.

तो मार्ग फक्त कॉलेजीकडेन वतालो. येरादारी व्हडलिशी नासली. एकाद्री सायकल ना तर स्कुटर मदें-मदें पासार जाताली. एकाद्री गिरेस्तालीय गाडी भुरग्यांक घेवन येताली. चडशो चलयो चोम्यांनी येताल्यो. शीलाक मात इश्टीणी जोडपाक अजून संद मेळ्ळुनासली. आयज तें रस्त्यावेल्यान एकटेंच चलतालें. रस्तो फक्त उच्च माध्यमीक शाळेकडेन वतालो. कॉलेज तेंकून आसली तरी ताका रस्तो वेगळो आसलो.

शीलाचें एकटेपण ताका आता फायद्याक पडिल्लें. तें आतां बसथानका पसून इल्लें चडूच पयस गेल्लें. ताच्या फाटल्या-फुडल्यान लागसाराक कोण ना तें पळोवन धीरून खिणांत गाडी चालू केली. जाता तितले गतीन ताणें ती धांवडायली. शीलाच्या सामकाराक ताणें जाता तितल्या नेटान ब्रेक मारलो. दार उकतें करून ताणें शीलाक भितर बसपाचो आग्रो केलो. कालूय ताणें हेच युक्तीचो उपेग केल्लो.

"धीरू, तूं? अशें कितें करता रे तूं? अकस्मात ब्रेक-सो मारलो? कितलें भियेलें हांव!"

"तूं इतलें भितलें म्हूण म्हाका खबर नासली."

"कित्याक भिवचें ना? मनीस न्हय तर हांव?"

"म्हाका खबर नासली, तूं इतलें भिजूड म्हूण! आनी हांवें इतलो हॉर्न मारलो आसतना तुवें तकली वयर करून पळेलें लेगीत ना."

"म्हाका संवय ना तशें पळोवपाची." शीलान सरळ जाप दिली.

"चल बस."

"ना. तूं वच."

"कित्याक? हांव मुजरत आयलां तुजे खातीर!"

"येवपाची गरज नासली."

"तुका नासत, पूण म्हाका आसा!"

"कित्याक?"

"तुजे असल्या स्मार्ट आनी मोगाळ चलयेचो वांगड म्हाका आवडटा म्हूण!"

"हांव मोगाळ आनी स्मार्ट? तुजी-म्हजी वळख तर कालच्यानूच जाल्या. इश्टागतीक इतलीच वळख पुरो जाता रे धीरू?"

"म्हाका तितलीच पुरो. चल बस तूं गाडयेंत. क्लास सुरू जावपाचो टायम जालो."

"हें पळे धीरू, काल एकदां हांव तुजे गाडयेंत बसलें. आतां म्हाका फोर्स करूं नाका."

“बरें आसा. दुसरे फावट तुका फोर्स करिना. आतां बस.”

“आतांय ना, आनी हेय फुडें तूं केन्नाच गाडी थांबोव नाका म्हजे खातीर! म्हाका आवडचें ना तें!” शीला मात्शें कडकसाणीन उलयलें.

शीलालीं कडकसाणीचीं उतरां धीरूक मानवलीं नात. ताका दिशिल्लें शीला सादें-भोळें. ताका पटोवपाक आपल्याक जड वच्चें ना. पूण ताच्या रूपांत जाल्लो बदल पळोवन तो हालललो. ताका दिसलें, शीला मुखार आपली दाळ आतां कशीच शिजची ना, तो थंयच्यान पळ काडुंकूय शकलो ना. ताचो अहंकार जागो जालो. तो शीलाकडेन गरजेभायर घासाघीस करूंक लागलो.

इतले म्हणसर फाटल्यान चलत आयिल्लीं भुरगीं गाडयेकडेन एकठांय जालीं. तांकां पळोवन शीलाक धीर आयलो. ताणें चंडीकेचें रूप धारण केलें आनी धीरूक फरमायलें.

“धीरू, वाट सोड म्हजी! ना तर हांव प्रिन्सिपलाकडेन कागाळ करतलें.”

धीरू प्रिन्सिपलाक चड भीक घालपी! पूण सगळी लज कडाशेक लावन मात तो भोंवनासलो. ताचेच कॉलेजींतल्या चलयां मुखार शीला ताचेर तापलें, हाची ताका लज जाली.

धीरू थंयच्यान कडसरलो. पूण वतां-वतां शीलाक धाक घालूंक तो विसरलो ना.

“शीला, तुवें म्हजें मन दुखोवन बरें करूं ना. हाचें मोल तुका फारीक करचेंच पडटलें. आय वील शो यू शीला” अशें म्हणत चलयांच्या चोंब्याचेर ताणें एक नदर मारली. रस्त्यावेलो पत्रो उडयत ताणें गाडी कॉलेजीचे दिकेन डाफरायली.

“तुजें नांव शीला गो?” चोंब्यांतले एके चलयेन प्रस्न केलो.

“हय. तुजें नांव कितें?”

“सुमन.”

“आनी म्हजें नांव शाली.”

‘बरें जालें. एका निमतान वळख तरी जाली.’’

‘‘आमकां कालूच तुजेकडेन वळख करीनशी दिसताली. पूण हो तुका आपणालेंच बेंस कशें समजून लागलो न्ही गो फाटीक?’’ आनी एकले चलयेन तोंड घालें!

‘‘आनी तूंय ताचेकडेन अशे तरेन मुरगट्टालें... की आमकां दिसतालें पयलेच भेटेक तुमचो मोग बी चल्ला जातलो.’’ सुमन उलयलें आनी शालीन दांत दाखयले.

‘‘हांव मुरगटना आसलें आं, ताचेकडें. आतां तुमचेकडें उलयतां तशेंच ताचेकडेन उलयतालें. हां, आतां हांसत्या तोंडान बरेभशेन उलयतालें म्हूण तुमकां तशें दिसलें जायत.’’

‘‘कितेंय जावं गो. आतां तुवें ताका बरी अद्‌दल घडयली. आतां कळ्ळें आमकां तूं कशें आसा पळे तें!’’ शालीन आपलें मत उक्तायलें.

‘‘कोणय मात्शें बरेंऽ उलयलें जाल्यार रोकडेच हिरोगिरी करपाक तयार हे!’’ सुमनान आपलो अणभव सांगलो.

‘‘ताकाच लागून खूबशो चलयो रागीट आनी सुकिल्ल्या चेऱ्याच्यो पळोवंक मेळटात.’’ चोंब्यांतलें एक चली उलयलें.

शीलाक आतां आयत्योच इश्टिणी मेळिल्ल्यो. एका-मेकांचीं फकांडा करीत, हांसत-खेळत शीला आपल्या वांगड्यां सयत केन्ना कॉलेजीच्या दरवंट्याकडें पावलें हाचो पत्तो कोणाक लागलो ना.

वाटेर गणोवनूय तीं लेक्चर सुरू जावंचे पयलीं कॉलेजींत पाविल्लीं.

सैमांत केन्ना अकस्मात बदल घडत हें कोणाच्यान सांगूक जायना. काल दीसभर पडिल्ल्या दाट पावसावेल्यान दिसून येतालें की फुडले दोन-तीन दीस तरी पावसाक नेट आसतलो. रातीकडेंय तो सतत पिरपिरत आसलो. मदें-मदें वाऱ्यासयत दडकोय येवन वताल्यो. मात कोंब्यान साद घाल्या उपरांत लोक जागे जाले आनी पावस इल्लो इल्लो उणो जायत गेलो, इतलो की सकाळ जाता म्हणसर पावसाचें नांव ना.

आयज अकरावी-बारावेचे वर्ग नेमान सुरू जावंक कसलेंच

आडमेळें आयलें ना. वर्ग सुरू जातांच शीलान आपल्या माथ्यावयलें चेंपण पयस केलें. सकाळीं जें कितें घडलें, तें सगळें विसरलें. आनीक कोणूय जाल्लें जाल्यार धीरूल्या धमकावण्यांनी अर्दमेलें जावपाचें.

आतां देड जाल्लें. कॉलेज सुटिल्लें. शीलाक धीरू आनी ताच्या धमकावण्याची सट्ट करून याद जाली. ताणें पुराय वर्गार नदर मारून धीरू खंय दिसता काय म्हूण पळेलें. धीरू खंयच दिसलो ना. ताका सूऽऽ जालें. बिनधास्त वर्ग सोडून तें पायऱ्यां वयल्यान सकयल देंवतालें. पळय जाल्यार फुडें सुमन उबें आसा.

"हाय!" सुमनान शीलाक आपुलकायेन जापायलें.

"हाय सुमन! तुजीं वांगड्यां फुडें गेलीं काय कितें गो?" शीलान आस्थेन खबर घेतली.

"आजून देंवूं ना. हीं पळे येतात. ताणीं म्हाका सांगलां, तुका एकटें वचूंक दिवं नाका म्हूण. तूं आतां बसी मेरेन आमच्या वांगडाच येतलें-वतलें. तूं आयज सावन आमची इश्टीण जाली. तुका एकटें सोडून कशें चलत? सदांच वेळ-काळ सांगून येना, अशें आमच्या जाण्टेल्यांचें म्हणणें!" सुमन आजीबाय कशी गांठीचीं उतरां सोडून मेकळें जालें.

वयांत आयिल्ल्या समवयस्क चलयांचो चोंबो आतां रस्त्या वयल्यान आवाज वाडय नासतना हांसत खिदळत चलतालो. जिवाभावाच्यो इश्टिणी त्यो! तातूंत आयज नवे इश्टिणीची भर पडिल्ली. मात ही नवी इश्टीण अजून तांच्यांत समरस जावपाची आशिल्ली. सगळीं उलयतालीं, शीला मान सकयल घालून आपलेच तंद्रेंत चलतालें. नाड आनी पाडे बुद्धीचे मनीस हुशार आसतात. एकदां कोणाकूय फोंडांत घालपाचें भूत तांचे तकलेंत शिरलें म्हणटकच तें केन्ना खंयच्या पावंड्यार पावत हाचो नेम नासता.

धीरू शीलाक मेत्यार खावन गेल्लो तो वर्गांत बसून मूस मारूंक न्हय. ताका शीलाचो बदलो घेवंक जाय आसलो. तशें केले बगर ताका न्हीद पडची नासली. आपली कापाजदाद शीलाक आनी ताचे इश्टीणींक

दाखयल्या उपरांतूच ताचें उचंबळ मन शांत जावपाचें.

शीलान केल्लो ताचो अपमान हेर चलयां हुजीर जावंनासलो तर घडये तो गप्प बसत आसलो.

तो वर्गांत गेलो. ताची हजेरी घेतल्या उपरांत ताणें वर्गांतल्यान कूस मारली. आपल्या दोन इश्टांक घेवन कॉलेज सुटच्या वगतार कॉलेजीचे वाटेर आयलो.

कॉलेजीच्या अरूंद रस्त्याकडेन एक विशाळ असो वटवृक्ष आसलो. तो रस्त्या वयल्यान आयिल्ल्या-गेल्ल्यांक शीतळ सावळेन थंडसाण दिवपाचें सत्कर्म करतालो.

असल्या ह्या पवित्र रूखातळा पापी धीरून पापकर्म करपाचें थारायलें. ताणें आपली कार कोणाक दिसना तशी झिलां पयल्यान व्हरून दवरली. दोगय इश्टां सांगाताक तो वडामुंदांत येवन शीलाची वाट पळयत तिश्टत रावले.

धीरूक दिशिल्लें शीला कालचे भशेन एकटेंच येतलें. पूण ताचो अंदाज चुकलो. पयसुल्ल्यान ताका चलयांचो एक चोंबो येता तो दिसलो. धीरून अंदाज बांदलो. शीला ह्याच चोंब्यांत आसूंक जाय. ताणें आपल्या इश्टांक वडा फाटल्यान लिपूंक सांगलें. आपूण चोंब्यार पाळत दवरून रावलो.

इतले म्हणसर चोंबो लागसाराक पावलो. शीला चोंब्यांत आशिल्ल्याची धीरून खात्री करून घेतली. ताणें आपल्या वांगड्यांक शिळोवणीं घाली.

चलयां चोंबो वडामुंदांत पावलो मात, वांगड्यां तेंक्यान धीरून चलयांचेर आकस्मीक घुरी घाली. धीरू रस्त्याचेर चलयां सामकाराक हात फाकारून उबो रावलो. धीरूक अकस्मात पळोवन सगळ्यो चलयो काचाबूल जाल्यो, कांय जाणांनी गोंदळून किळांच्यो मारल्यो. पूण मजा अशी, शीला मात कसलीच हालचाल करिनासतना रस्त्याचेर थीरतायेन उबें रावलें. धीरूच्या दोळ्यांत दोळे घालून.

भित्र्या फाटल्यान कुत्रो लागता, ही गजाल शीलाक खबर आसली. ताणें आपली सुवात सोडली ना.

शीलाक सोडून दिल्यार आपूण शेणटलों. सगळ्या चलयां मुखार आपलें नाक कापतलें हाची जाणविकाय धीरूक जाली. ताणें फाटलो-फुडलो विचार केलो ना. शीलाचो हात धरून ताणें ताका ओडपाक सुरवात केली.

''धीरू, सोड म्हाका!'' शीलान हाताक झटको दीत म्हळें.

''तुका सोडूं? खंय सोडूं? चल सोडटां!'' अशें म्हणून धीरून शीलाक आनीक एकदां रस्तीन ओडून घेतलें.

''तुमी खूंट कशे उबे रावन कितें पळयतात रे, धरात तुमकां जाय ताचो हात, आनी घेवन वचात तुमकां जाय थंय. हाका हांव पळेतां.'' अशें म्हणत ताणें शीलाचो हात सोडलो. दोनय हात फांकारून दैत्य कसो शीलाक वेंग मारूंक धांवलो. शीलाक खंयचो चेव आयलो देवाक खबर. ताणें धीरूची नदर चुकोवन ताच्या दोंक्यार, रस्तीन एक फांपार घालो. शीला अशें करीत हाची धीरूक कल्पना नासली. तो गर्भगळीत जालो. शीलान हीच संद सादोवन चंडिकेचें रूप धारण केलें. पयल्या फांपारान धर्तरेक तेंकिल्ल्या धीरूचेर शीलान फांपारांचो असो पावस घालो, की ताका उठपाक संद मेळची न्हय.

आपलो हिरो फांपरां मार खाता तें पळोवन धीरूले वांगडी अजापीत जाले. तांच्यो तकल्यो भेरेल्ल्यो. तांकां कितें करचें कांयच समजनां जालें.

इतल्यान धीरू आसा थंयच्यान आड्डलो-

''आरे भोज्यांनो, तुमच्या हातार पांचवीं नोटां दवरून हांगा हाडल्यात, ते गाढवां भशेन उबे रावन पळोवंक?''

''तुवें सांगलें बगर तुगेल्याक आमी हात कशे लायतले?''

''शापतां सांगूं नाकात रे! ओडात ताका आनी मारात भायर.'' धीरू अशें म्हणटा थंय आसा, धीरूच्या वांगड्यांनी शीलाचेर झोपय मारून ताका भायर ओडलें. इतले म्हणसर धीरू उबो जालो. तिगांनीय

शीलाक धुकलीत वडा फाटल्यान व्हरपाक सुरवात केली.

शीलाक धुकलीत व्हरतात तें पळोवन वांगडी भुरगीं काचाबूल जालीं. थोडीं भियेलीं. एकटें तर आकांतून आड्डलें–

"प्रथमेश कम फास्ट!"

एका भुरग्यान नेटात हात हालयलो. वडामुंदांत कसली तरी गडबड चल्ल्या. प्रथमेशान कळाव केलो ना. ताणें सायकल तशीच वळयली. पळय जाल्यार दोग–तीग गुंड एके चलयेक धुकलीत व्हरतात. प्रथमेश तो देखावो पळोवन आकांतलो. ताणें आपली सायकल तशीच धुकलून दिली. पयस रावन चित्त्यावरी धीरूचेर उडी घेतली. तसो पळोवंक गेल्यार प्रथमेश हाडकुटो आनी शिरपुटो. पूण एकदां कोणाचेर उडी घेतली म्हण्टकीर तो सुंगट कसो पिटपिट्टालो.

आतां ताणें एका झटक्यान शीलाक धीरू पसून कुशीक काडलें. भरभरीत ओडून हाडून ताका चलयांमदें धुकलून दिलें. मागीर तो अशे तरेन तिगांयचेर तुटून पडलो की, तांकां थंयच्यान पळ काडल्या बगर दुसरो उपाय उरलो ना. जीव आसल्यार भीक मागून खायन म्हूण धीरून आपल्या वांगड्यां सयत थंयच्यान जो पळ काडलो, फाटल्यान वळून पळोवपाचे भानगडींत लेगीत तो पडलो ना.

धीरू तेवटेन पळून गेलो. हे वटेन चलयां चोंबो आपले वाटेन चालीक लागलो. तांच्या मनांत एकूच विचार आतां घोळटालो आनी तो म्हळ्यार प्रथमेशाचो. प्रसंग ल्हान सो. पूण तो चलयांचे दिश्टीन म्हत्वाचो आसलो. आज प्रथमेश जर थंय धांवून येवंनाशिल्लो, तर शीलाचें कितें जातलें आसलें? शीला धरून चोंब्यांतल्यो चलयो सात आसल्यो. ताणीं मनांत हाडिल्लें जाल्यार तीन गुंडांक त्यो सासणाचें लिसांव शिकोवंक शकताल्यो. शीलाची देख तांच्या मुखार उबी आशिल्ली. शीलाक दिसतालें, आपणें धीरूक जसो फांपरायलो, तेचपरी सातूय चलयांनीं एकठांय जावन जर त्या तिनूय गुंडांक मदें घालून खोटायल्ले, धुमकायल्ले आनी पिसडून सोडिल्ले, तर तांकां अद्दल

घडटली आसली. पूण शीला सोडलें जाल्यार एकेय चलयेच्या बोडांत हे विचार आयले नात. परावलंबनांचें मूळ स तकल्यांनीं रिगून घट्ट जाल्लें. थंय एकल्याचीं शाणेपणां कशी चलतलीं?

प्रथमेशान आतां वडामुंदांतली सायकल उबी केली. दुसऱ्या हातान कपडे फाफुडले. चलयांच्या भिऱ्यांचेर एक वयल्या वयर नदर मारली. अशे तरेन की आपल्या कडल्यान व्हडलोसो कसलोच पराक्रम घडलो ना. जें कितें घडलें तें सहजतायेन घडलें.

मात सैम मनशाच्या जिवितांत सुखाचो खीण कसो आनी केन्ना निर्मीत हाचो नेम नासता. अशें करतना सैम जातधर्म, वेळ-काळ हाचें मातूय भान राखीना.

प्रथमेशान शीलाक गुंडां कडच्यान आपल्या ताब्यांत घेवन मागीर ताका आकांतून चलयां दिकेन धुकलून दिलें. धुकलताना ताचो एक हात शीलाच्या फुडें आयिल्ल्या नाजूक आनी कंवळ्या वक्षस्थळाक लागलो. हो कळटां नाकळटां जाल्लो स्पर्श शीलाक खिणभर परमानंद दिवन गेलो. ह्या स्पर्शान शीला स्वताक खीणभर विसरून गेलें. असलो सूखस्पर्श शीलाक जाय जाय सो दिसूंक लागलो. धीरूनय ताच्या सगळ्या आंगाक स्पर्श केल्लो, पूण तो कांटयाळो आनी दुख्खदिणो अणभव आसलो शीलाक.

प्रथमेशाकय त्या स्पर्शाची जाणविकाय जाल्ली. पूण तातूंत कसलीच आसक्ती नासली. स्पर्शान ताचे हात सुखावले. पूण हें सूख आपल्या खातीर न्हय म्हूण ताणें ताचो विचार सोडून दिलो.

शीलाचें मात तशें जालें ना. प्रथमेशाचो स्पर्श ताका फक्त दादल्याचो लागलो ना. त्या स्पर्शांत पवित्रकाय आनी आपलेंपण आसा, हाची जाणविकाय शीलाक जाली. प्रथमेश शीलाच्या मनांत रिगलो आनी तें गूंग जालें. ते गुंगेंत घरा केन्ना पावलें, हें ताकाच कळ्ळें ना. ताच्या वांगड्यांक मात दिसलें, की तें धीरूच्या भंयान दुगदुगलां- ताचे तकलेर ताण पडला. तेन्ना ताका जाता तितलो धीर दिवपाची चड गरज

आसा. सगळ्या वांगड्यांनी शीलाकडेन चड उलोवप बंद केलें. पूण शीलाचें मन मात वेगळ्याच कारणान अथीर जाल्लें.

:२९:

मनीस कितलोय त्रासीक आनी उचंबळ जाल्लो आसलो, तरी एक ना एक दीस ताका शांत जावचोच पडटा. ना तर फुडें जगप ताका कशेंच शक्य जायना.

म्हयनो-देड म्हयनो शीलाचें चित्त कॉलेजींत थाऱ्यार नासलें. कॉलेजींतल्यान घरा येतकीरूय ताचो चेरो खिणा कणकणी उदास-उदास सो लागतालो. कॉलेजीतलीं हेर भुरगीं हुस्के विरयत बोवाळटालीं. चडशीं भुरगीं खात्या-पित्यालीं आशिल्ल्यान तांच्या मुखार शिक्षणाच्या मोखी शिवाय आनी कसलोच हुस्को नासलो.

खरें म्हळ्यार कॉलेजींतल्या खंयच्याय शिकपी भुरग्या परस शीलाचें जिवीत वयल्या पावण्यावेलें आसपाचें. फक्त आज्जेच्या उतरांचें मोल राखल्यार पुरो आसलें. सगळें सूख आनी गिरेस्तकाय शीलाची दासी जावपाची. पूण कांय मनशांचे बाबतींत संवसारांतल्या सगळ्या सुखा परस अहंकार मोलाचो आसता. अहंकाराक इल्लो लेगीत धपको बसल्यार अहंकारी मनीस आपले पुराय गिरेस्तकायेचेर केन्नाय खोंट मारूंक शकता. शीलानूय तशेंच केल्लें. आज्जेन शीलाचो अहंकार दुखयल्लो. ताका लागून तें गाडयो-घोडे आनी पालासेवरी निवास सोडून, गरीब मामी वांगडा इल्लेशा कुडांत दीस काडटालें. गिरेस्तकाये परस तत्वाक चड म्हत्व दिवपी मनशांचें अशेंच आसता.

"बाय शीला!"

"कितें मामी?" शीलान न्हिदेंतल्यान जागें जाल्लेवरी कच्च करून आंग काडून जाप दिली.

"तूं ह्या दिसांनी शेणिल्लें गोरूं कशें वागता मगो?" निर्मलान आपलो दुबाव उक्तायलो.

“खंय गे, कांय ना!”– शीला

“कांय ना कशें तर? आदलें शीला खंय तरी शेणलां कशें दिसता म्हाका. माँ ची याद बी येता काय कितें गो?” निर्मलान सात–आठ वर्साच्या भुरग्याक विचारता तसो प्रस्न केलो.

“हांगा तूं आसतना म्हाका कोणाची याद येना.” निर्शेल्ल्या शीलान तोंडार मात्शें हांशें हाडीत म्हळें.

“हांगा आयलां तेन्ना म्हज्या शीलाचो चेरो फुलिल्लो दिसतालो. आता दिशीं–दिशीं बाविल्ल्यावरी दिसता, म्हूण म्हळें बाये! तुजी ही दशा पळेल्यार कोणूय म्हणटलो, शीलाक गरीबकाय बादली.” निर्मल सहज उलयलें, पूण शीलाक तें मानवलें ना.

“सगळ्या गिरेस्तालीं भुरगीं फुलिल्लीं आनी तरतरीत आसतात गे मामी? तोंड आसा म्हूण कित्याकितेंय उलयतली.” शीलान मामीवेलो राग उक्तायलो.

शीलाचे बाबतींत निर्मल सदांच सतर्क रावतालें. कारण ताचे दिश्टीन शीला लेचेंपेचें भुरगें नासलें. ताचे कडेन उलयतना उतरान उतर जोखून–मापून उलोवंक जाय हाची कल्पना आसली निर्मलाक. पूण केदोय व्हडलो शाणो आनी बुदवंत मनीस एक ना एक दीस घसरताच. निर्मलाचीय तीच गत जाल्ली. उलोवंक फाव नाशिल्लें अनावधानान उलोवन मेकळें जाल्लें तें. ते पासत ताका इल्लें वायट दिसलें खरें, पूण शाणीं मनशां तेंच घेवन बसनात. आपले कडसून एकाद्री चूक घडली तर ती सुदारून फुडें वचपाच्या प्रयत्नांत आसतात. तातूंतच तांकां सुखाची वाट दिसता. निर्मलानूय तेंच केलें. ताणें आपल्या मनाचेर पांगरूण घालून आपले भाच्चेकडेन सांबाळून वागपाचें थारायलें.

आनी शीला? मामीन आपल्या मनाचेर केदेंय व्हडलें पांगरूण घालें म्हूण तें शीला पसून लिपतलें थोडेंच! आपूण आपले मामी कडेन वागतना चुकलें. तिका वायट दिसलें. पूण तें ती लिपोवपाचो प्रयत्न करता, हें ना कळपा इतलें दूदखुळें नासलें. तिका मामीचें मन कळ्ळें.

आपली चूक कळ्ळी.

मामी आपल्याचेर माया करता. पूण कितलीय जाली जाल्यार ती परकी! आपूण परक्यांच्या घरांत आसा. परक्यांच्या घरांत वावुरतना तांच्या मनाचो थाव घेवन वावुरपाची चड गरज आसता. तशें केलेंना जाल्यार संशय वाडपाची शक्यताय आसता. पूण शीलाक ह्या गजालींचो विसर पडिल्लो.

शीलान आपली चूक मनांतल्या मनांत कबूल केली. खरें म्हळ्यार ताणें कसलीच चूक मुजरत अशी करूंक नाशिल्ली. धीरूचे बाबतींत जें कितें घडिल्लें तें ताणें आपले मामीक सांगून मन मेकळें केल्लें. आतांची उदासी ताची भावनीक आशिल्ली. शीलाच्या मनाचो खेळ आशिल्लो तो. तो बंद करपाचो उपाय शीला शिवाय हेर कोणाकडेंच नासलो.

आपल्या मनांत उमाळे फुट्टात, हे उमाळे खोशेचे नासून चिंतेचे आसात. ही चिंता आपल्या चेऱ्यार पातळटा आनी आपूण ती लिपोवंक शकना, ही गजाल शीलाक मनांतल्या मनांत खाताली.

कसली चिंता आनी कसली उदासी? शीलाक धीरूची व्हडलीशी पर्वा नाशिल्ली. तें ताका मात्तूय भीक घालिनाशिल्लें. पूण ताका सतायतालीं तीं दादल्यांचीं दोन रूपां. धीरू राकेसाचें रूप घेवन समाजांत वावुरतालो. आपलें रूप केंद्रीत करून पुरूसजातीच्या नांवाक कलंकीत करतालो.

दादल्या मनशाचें दुसरें रूप शीलान पयले फावट अणभवल्लें तें प्रथमेशांत. प्रथमेश धीरू सारको गिरेस्त नासलो. धीरू प्रमाण तो जातीन बामणूय नाशिल्लो. पूण समाज बामणां कडच्यान ज्या सात्वीक गुणाची अपेक्षा करता, ते गूण प्रथमेशाकडेन आसले. शरिरान तो बळिश्ट आशिल्लोच. शिवाय सुंदरकाय आनी वीरतायेंत तो हेर कोणाय परस मातूय उणो नाशिल्लो.

प्रथमेशाची भेट आनी स्पर्श जाल्या उपरांत शीला ताच्या मोगांत पडिल्लें. हो मोग मुजरत केल्लो नाशिल्लो तर तो आपशींच घडून

आयिल्लो. मात हो मोग उक्तो करपाक शीलाक तितलें-शें सोपें नाशिल्लें. कारण, प्रथमेश हो अत्यंत गरीब आनी शीलाचे जाती भायलो भुरगो आशिल्लो. ताचे वेलो मोग उक्तो केल्यार शीलाच्या जिवितांत अडचण येवपाची शक्यताय आसली. ताका लागून प्रथमेशा विशींचें आकर्शण शीलाक तात्पुरतें तरी लिपोवन दवरचें पडलें.

शीला आतां आपल्या मामीच्या सांगातान खोशेन वावरूंक लागिल्लें. आपूण आता नेटान अभ्यासाक लागलां, आपल्यांचेर कसलेंच कोणाचें चेंपण ना, अशें मामीक दाखोवपाचें तें नाटक करतालें. निर्मल मात शीलाचीं सगळीं नाटकां बरे भशेन वळखून जाणा आशिल्लें. मात तें ताका दाखोवन दिनाशिल्लें. 'तेरी भी चूप-मेरी भी चूप' असली भुमिका आपणावन वागतालीं तीं दोगांय! तरी ही भुमिका तीं कायम राखूंक शकनासलीं. एकामेकाच्या सुख-दुख्खांत वांटो घेवन जियेतलीं जाल्यार एकामेकाकडेन मनां उकतीं करपाची गरज दोगांकूय आशिल्ली.

:३०:

आमी आमच्या भुरग्यांच्या लग्ना वेळार प्रतिश्ठीत घराब्यांकडेन संबंद जोडूंक पळेतात. अशें करतना एकाद्र्या घराब्याचें कूळ आनी मूळ, ताचे धागे-दोरे खंय-खंय आसात हें खोलायेन सोदून काडपाच्या कामाक लागतात. पूण एका तेंपार घरंदाज आशिल्ले, नांवलोवकीकाक पाविल्ले घराबे आता खंय पावल्यात, त्या घराब्यांतले दिवटे आतां खंय उजवाड घालतात, खंयच्या येमकोंडांच्या दारार उबे रावन पारो करतात, हाची चवकशी करपाचे भानगडींत कोण पडनात. असल्या वगतार गरजवंताचे मजतीक समजांतले जाळवणदार आनी कारभारी धावून येतात. ह्या लोकांचो हेत फकत आपलो सुवार्थ सादोवन घेवपाचो आसता. ताका लागून फाटल्या तेंपार आमच्या भुरग्यांक चड करून चलयांक-तोंड धांपून सगळें सोंसचें पडटालें.

पूण आता आदलो तेंप उरूंक ना. चलयो उच्च शिक्षण घेवन फुडें

पावल्यात. तांकां आपलें बरें-वायट कळटा. आपल्या आवय-बापायक पयस दवरून, नात्या-गोत्यांतल्या मनशांचें कोंत करिनासतना त्यो चडशो आपले प्रस्न सुटावे करपाक सोताच निर्णय घेतात. तांणीं घेतिल्ले सगळेच निर्णय तांच्या फायद्याक पडटाच अशें नासता. पूण तांचे दुशपरिणाम भोगपाची तांची तयारी आसता. तेच परी फुडाराक उप्रासपी दुशपरिणाम टाळपाचो तांचो प्रयत्न आसताच.

शीलाच्या जिवितांत प्रथमेश आयिल्ल्यान ताचें मन गोंदळून गेल्लें. अथीर जाल्लें ताचें मन. अभ्यास करतना, जेवता-खातना प्रथमेशाचेच विचार येताले ताच्या मनांत. ताका दिसतालें, मनांत अशे तरेचो गोंदळ चालू दवरप समा न्हय. ताका दिसतालें, प्रथमेशाकडे वचचें. ताचेकडे इश्टागत करची. ताचें मन जाणोवन घेवचें. विचार समजून घेवचे. दुडू आनी भाटां-बेसांचे गिरेस्तकाये परस विचारधन चड मोलाचें आसता. एकाद्रे व्यक्तीन आनी ताच्या वाडवडलांनी जोडून दवरिल्ली गिरेस्तकाय केन्नाय नश्ट जावंक शकता. मात मनशाचें विचारधन निमणे मेरेन ताका जगपाक बळगें दिता हें शीलाक कळटालें.

शीलान आतां थारायलें प्रथमेशाची भेट घेवची. भेटपाक ताका निमित्तूय आशिल्लें. प्रथमेशान ताका धीरूकडेन झूंज दिवन सोडयल्लें. अजून ताणें ताका थँक्स दिवंक नाशिल्ले. हे संदीचो लाव घेवन एक दीस आयताराचें ताणें सुमना वांगडा वचून प्रथमेशाक मेळचें अशें थारायलें.

सुमन आतां ताची आवडटी इश्टीण जाल्ली. सुमनाक प्रथमेश खंय-खंय आसतलो, हाची पक्की खबर आशिल्ली. दोगीय इश्टीणींनी प्रथमेशाक जाता तितले बेगीन भेटपाचें थारायलें. आयज दीस आनी वेळ थारावपाक सुमन मुजरत शीला म्हऱ्यांत आयलें. शीला सारके आपले इश्टीणी खातीर कितें तरी करचें अशें दिसतालें सुमनाक.

‘‘शीला, फाल्यां शुक्रार मगो?’’

‘‘हय. कित्याक गो?’’ शीलान मात्शें आकांतल्या भशेन जावन प्रस्न केलो.

"फाल्यां भेटुया मगो आमी ताका?" सुमनान उक्त्या मनान प्रस्न केलो.

"कोणाक गो?" शीलान उत्सुकतायेन ताका पळेलें.

"तुज्या मोग्याक, आनी कोणाक?" सुमनान दांत दाखयत म्हळें.

"शडाप! फाजीलपणां करूं नाका म्हजे मुखार."

"तुका प्रथमेशाक भेटूंक जाय म्हणटालें न्हय गो तूं?" सुमनान आपलो चेरो निर्विकार करून म्हळें.

"हय. म्हाका ताका कशेयभशेन मेळूंक जाय गो सुमन!" शीलान आपलो निश्चेव उक्तायलो.

"तशें जाल्यार फाल्यांच भेटुया मगो ताका आमी!"

"फाल्यां जाल्यार फाल्यां भेटुया. पूण तो मेळटलो खंय फाल्यां?" शीलान चेऱ्यावेलो उजवाड लिपयत म्हळें.

"फाल्यां तो कोमुनिदाद हॉलांत येतलो." सुमनान म्हायती दिली.

"थंय सो कित्याक गो बाये?" शीलान अजापून म्हळें.

"थंय तो सोमार, बुधवार आनी शुक्राराचो हिन्दी प्रवीण शिकपाक वता." सुमनान म्हायती दिली.

"तें बरें आसा गो. पूण तो क्लासाक आसतलो. आमीं कितें करपाचें थंय वचून?" शीलान आपली अडचण उक्तायली.

"आवंय! शी बाये!! कितें गो शीला तूं? इतलें शाणें आसुनूय पिशेपणां उलयता मगो तूं? तुका इतलेंय कळना गो? क्लास सुटचे आदीं पांच-धा मिनटां आदीं वचपाचें आनी ताची वाट पळेत भायर उबें रावपाचें." शीलाहून आपूण शाणें आशिल्ल्याचें सुमनान दाखोवपाचो यत्न केलो.

"आनी मागीर थंयच उलयतलीं गो ताचेकडे?"

शीला प्रथमेशाकडेन थंडपणान पांच-धा मिनटां तरी उलोवंक सोदतालें. ताच्या उलोवण्यावेल्यान ताका तें आनीकूय पारखूंक सोदतालें. ताच्या मनाचो थाव घेवंक जाय आशिल्लो ताका.

“थंय कित्याक, आमी गार्डनांत या ताका घेवन. मुन्शीपाल्टी गार्डन थंयच्यान लागींच आसा.”

शीलान चिंतलें, वांगडा सुमन आसा. प्रथमेशा वांगडा गार्डनांत वचपाक हरकत ना. गार्डनांत भोंवतासतना कोणूय वळखीचो भेटपाची शक्यताय आसा. तेन्ना प्रथमेश कोणा वांगडा गार्डनांत आयला, हें स्पश्ट जावंक फावना हाची जतनाय घेवंची पडटली अशे विचार शीलाच्या मनांत आतां घोळूंक लागिल्लें.

शीलाक आदीं दिसतालें, चले-चलयांनीं आपसांत मेकळेपणान वागचें. भाव-भयणां वागतात तशें. नितळ मनान. लज-भीड बाळगी नासतना.

पूण धीरूचे भेटीन, ताचेकडे मेकळेपणान वागून, खतखतीत दूद पिल्या उपरांत तोंड लासिल्ल्याची गत जाल्ली शीलाची. तेन्ना सावन ताक लेगीत हळू फूक मारून पिवचेंशें दिसतालें ताका.

थारायल्ल्या प्रमाण शीला आनी सुमन कोमुनिदाद सभाघरा भायर पांच मिनटां आदींच पावलीं. वर्ग सुटलो. चार-पांच भुरगे उलयत-उलयत भायर आयले. तातूंत प्रथमेश नासलो. खरें म्हळ्यार वर्गांत सात-आठूच भुरगे शिकताले.

थोडे वेळान आनीक दोन चली भुरगीं वर्गांतल्यान स्कर्टांतलें कमर हालयत भायर सरलीं, तांचीं तोंडां मातय उसंत धरिनासतना बडबडटालीं.

बरोच वेळ पासार जालो तरी प्रथमेशाचो पत्तो ना. सुमनाच्या मनांत पाल चुकचुकली. हो आयज आयलोना बी काय? तसो क्लास चुकोवपी भुरगो न्हय तो. कितें जालें काय?

“कितें करूया गो शीला? या मगो आमी आता?”

“या तर! आनी कितें करतलीं?” अशें म्हणटना शीलाचें तोंड येदेंऽ जालें. प्रथमेशाची भेट जावंक नाशिल्ल्यान निर्शेल्ल्याचे भाव शीलाच्या चेऱ्यार स्पश्ट दिसताले.

आतां तांचीं पावलां रस्त्या दिकेन वळिल्लीं मात, प्रथमेश

वर्गांतल्यान भायर सरलो. ताच्या वांगडा वर्गाचो अध्यापक आशिल्लो. अध्यापक आपलो हात प्रथमेशाच्या खांदार दवरून उलयत चलतालो. ताका लागून प्रथमेशाक हेवटेन-तेवटेन पळोवपाची संद मेळनाशिल्ली.

मात प्रथमेशाक पळोवन दोगीय इश्टिणी खोशी जाल्यो.

"नमस्ते जी!" सुमनान दोन धेंपा फुडें वचून प्रथमेशाचीं फकांडां करपाच्या उद्देशान म्हळें. प्रथमेशान दोगांकूय फक्त स्मित केलें. सुमनान अध्यापकाक अभिवादन केलें. तें ताका आदीं सावन वळखतालें. अध्यापकाच्या आता लक्षांत आयलें, सुमन आनी ताचें वांगडी प्रथमेशाक मेळूंक आयल्यांत. ताणें "अच्छा जी" म्हणून आपली वाट धरली.

"प्रथमेश, तूं हाका वळखता?" शीलाक बोट दाखोवन सुमनान प्रथमेशाक प्रस्न केलो.

कांय दिसां पयलीं प्रथमेशान शीलाक धीरूचे तावडींतल्यान सोडयल्लें. नाय म्हळ्यार, आपणें एके सुंदर आनी ओडलायणे चलयेक गुंडांपासून मुक्त केल्या हाची जाणविकाय प्रथमेशाक आशिल्ली. तें सुंदर आनी आकर्शक आसुनूय ताका बारीकसाणीन पळोवचें अशें प्रथमेशाक दिसूं नाशिल्लें. मात ताच्या मोव-मोव थानाचो सुखदिणो स्पर्श तो अजून विसरूंक नाशिल्लो.

त्या प्रसंगा उपरांत प्रथमेश शीलाक आता पयलेच फावट पळयतालो. ते दिसा गुंडांपसून सोडयल्लें चली तें हेंच, हें कळपाक प्रथमेशाक चड कळाव लागलो ना. शीलाक सोडोवपाक सुमनानूच आफोवन व्हेल्लो आनी आता शीला सुमना वांगडा प्रथमेशा सामकारा उबें आशिल्लें.

शाळा-कॉलेजीक वचपाचो-खास करून चलयांचो पोशेग खाशेलो आनी हेरकडे वचपाचो वेगळो आसता. ते दिसा शीला कॉलेजीच्या पोशेगांत आशिल्लें. ते पासत तें तितलेंशें फुलून दिसनाशिल्लें. आयज मात तें खाशेल्या पोशेगांत खाशेल्या मनशाक मेळूंक आयिल्लें. ताचो पोशेग सादोच आशिल्लो. पूण तो शीलाचे

सुंदरकायेंत चडच भर घालतालो.

सुंदर मनशाक कितेंय सोबता म्हणटात तें हांगा शीलाचे बाबतींत प्रमाणीत जातालें. तशें तें आंगलटीन मातशें जाड-जूड. पूण आपले मामीगेर येवन राविल्ल्यान ताका इल्ली शिडशिडसाण आयिल्ली. ही शिडशिडसाण, आंगभर गोरसाण, चेऱ्यार तिकतिकी, चाफ्याकळयेची याद करून दिवपी सुसोबीत लांबशें नाक, गबे काडिल्ल्या केळी कांडावरी दोनूय पांय; तिकली विरयत रूंद कपल, उक्ते हात, उकतो गळो आनी मुजरत केल्लो बॉबकट! भांगरां शिंगरांकूय लजोवपी ह्या भेसांत शीला आयज चडूच देखणें दिसतालें.

प्रथमेश सुवार्थी विचारांचो नाशिल्लो. आपले पेल्याची ताका जाणविकाय आशिल्ली. दुसऱ्याचें आड मार्गान आपणावप हाका तो पाप समजतालो. तरी तो मनीस आशिल्ल्यान आपल्या मनांतल्यो भावना लिपोवन दवरूंक शकनाशिल्लो. अप्सरेसम शीलाक पळोवन प्रथमेशाच्या मनांतली रसीकताय जागी जाली. शीलाक तो केदो वेळ सस्मित पळयत रावलो. शीलावेली नदर तो बरोच वेळ हालोवंक शकलो ना. तरी बरें, सुमन आनी शीला शिवाय थंय आनी कोण नाशिल्लो.

प्रथमेश आपल्यावेली नदर काडिना, हें पळोवन शीला मनांतले मनांत खोशेलें. ताका दिसलें आपूण प्रथमेशाच्या मनांत भरलां जावंये. फुडें कितेंय जावं आतां थोडिशी इश्टागत वाडली जाल्यार फुडें पावल घालूंक आडखळ जावंची ना. आमची इश्टागत मोगाचें पयलें पावल घडूं येता. शीलान प्रथमेशाच्या स्मिताक स्मितान जाप दिली. ताणें आपल्या दोळ्यांतलो प्रेम भालो प्रथमेशाच्या काळजार रूतोवपाचो येत्न केलो. पूण प्रथमेशाक शीलाच्या रूपान सामकाराक दिसताली ती फकत दिव्य आनी भव्यताय. प्रथमेशाक दिसतालें, ताणें शीलांतली सुंदरकाय दोळ्यांनी दोळेभर पिवची. ताच्यांतले दिव्यतायेक-भव्यतायेक कर जोडचे. सामकाराक सूखव्हाळ व्हांवता तो देगेर बसून मेळटा तितलो वेळ नियाळीत रावचो. मळबांतलीं काळखे रातींतलीं नखेत्रां आनी पुनवेचो

चंद्रीम पयस रावन तोखेवचो, तेचपरी शीलांतली सुंदरकाय, दिव्यताय आनी भव्यताय दोन धेंपा पयस रावन दोळ्यांनी पिवन काळजांत सांठोवन दवरची, अशें प्रथमेशाक दिसतालें. पूण वेळ काळाचें भान आशिल्ल्या प्रथमेशाक थंय तें जमलें ना. न्हिदेंतल्यान जागयता तसो सुमनान ताका जागयलो, आनी भानार हाडलो.

"हांव कितें विचारतां तुका प्रथमेश?"

"कितें?" प्रथमेश आतां मातसो गंभीर जालो.

"हाका तूं वळखता काय म्हूण विचारलां हांवें. आनी तूं जाप दिवपाक विसरलो."

"आतां आयलें लक्षांत, कांय दिसां पयलीं गुंडांनीं आडायल्लें हाका. हांवें सोडोवपाक ताका मात्शी मजत केल्ली." प्रथमेश नमळतायेन उलयलो.

"मात्शी? मात्शी कितें म्हणटा रे तूं! हांवें तुका आकांताक उलो मारून आफोवं नाशिल्लो जाल्यार ते वेळार हाचें कितें जातलें आशिल्लें देवाक खबर! तें तुका थँक्स दिवपाक आयलां."

"थँक्स!"

"थँक्स कसले? हांवें म्हजें कर्तव्य केलां."

"मागीर ते पासत थँक्स दिवपाचें म्हजें कर्तव्य म्हाका करूंक नाका तर? खरें म्हळ्यार हें हांवें खूब पयलीं करपाचें. पूण तुका खंय आनी केन्ना भेटपाचें तें थारनाशिल्लें. शेकीं सुमनान ही भेट घडोवन हाडली."

"बरें केलें सुमनान. म्हाका आनीक येक इश्टिण गावली." प्रथमेशान आपली खुशालकाय उक्तायली.

"आनीक एक इश्टीण? अशो कितल्यो इश्टिणी आसात तर तुका?" शीलान गंभीरतायेन प्रस्न केलो.

"कित्याक? एका परस चड इश्टिणी आसप वायट तर?" प्रथमेशान मुजरत शीलाच्या मनाचो थाव घेतलो. पूण शीला उलोवचे पयलींच सुमन पच्व करून उलयलें.

“आसच्यो रे कितल्योय! इश्टिणी चड आसल्यो म्हूण कोणाचें कितें लुकसाण जाता? आता हांव शीलाची इश्टीण न्हय? शीलाक तशो आनीकूय खूबशो इश्टिणी आसात. पूण म्हाका तें आपली खाशेली इश्टीण मानता, न्हय गो शीला?” सुमनालें उलोवप प्रथमेशाक तितलेंशें मानवलें ना. तें आपले इश्टिणीच्या इश्टागतीविशीं दुबाव घेता, अशें दिसलें ताका.

खरें म्हळ्यार शीला आनी सुमनामदली इश्टागत दाट आशिल्ली. सुमनाक ती पारखुपाची गरज नाशिल्ली. पूण सुमन केन्ना-केन्ना तोंडाक सुवाद धरिनासतना उलयतालें. आतांय तें तशेंच उलोवन गेलें.

“म्हाका सगळ्यो इश्टिणी सारक्योच. हांव तांच्यामदें भेदभाव कित्याक करूं?”

‘आपल्याक सगळ्यो इश्टिणी सारक्योच.’ म्हणून प्रथमेशान आपलें निर्मळ मन उकतें केलें. ताका खाशेली अशी इश्टीण आशिल्ली जाल्यार ताचो तो निर्वाळो दितलो आशिल्लो. सुमन आपल्याकडे कसल्या अर्थान उलयता तें प्रथमेशाक कळटालें. सुमनाक मात दिसतालें, आपल्या उलोवण्याचो अर्थ प्रथमेशाक स्पश्ट आनी पुराय समजूना जावंये. ताणें फुडें म्हळें-

“तुजे दिश्टीन सगळ्यो इश्टिणी सारक्यो आसत रे, पूण मनीस म्हळो म्हणटकच ताका मन आसता. ताच्यो आवडी-निवडी आसतात. आता तुजीच गजाल घे! शीलाचेर गुंडांनी जेन्ना घुरी घाली, तेन्ना वाटेवयल्यान तुजे येदे जायते तरणाटे येता-वताले. पूण शीलाक गुंडांच्या चोपक्यांतल्यान सोडोवंचें, अशें मात कोणाक दिसलें ना. ते तरणाटे, ते गुंडूय आनी तूंय तरणाटोच. पूण सगळ्यांक सारके अशें कोण म्हणटलो?”

सुमन दिसपाक आनी उलोवपांत मातशें अरवळशें दिसतालें. मात तें प्रसंगार आपले शिटुकसाणीचो उपेग बेस बरो करून घेतालें. ताका प्रथमेशाक चड वेळ बुचकळ्यांत घालचेंशें दिसलें ना. तें शीलाच्या

मनांतलें उक्तेपणान उलयलें-

"प्रथमेश, ही म्हजी इश्टीण -शीला! तिका तूं पुराय वळखना बी जायत म्हूण सांगतां. ही ह्या शारांतल्या एका व्हडल्या गिरेस्ताली धूव. तुज्या कर्तुबान आनी गुणांनी तूं तिका आवडला. म्हजे हे मोगाळ इश्टिणीक तूं तिचो जल्माचो जोडीदार जावंचो सो दिसता."

सुमनालें कथन आयकून प्रथमेश कितें समजूंक जाय तें समजलो. येदो वेळ तकलेंत गोंदळ, दुबाव बी शिगमो खेळटाले. आता ते खिणांत पयसावले. प्रथमेशाक कळून आयलें, शीलाचो मुखेल हेत उपकार मानपाचो नासून तो आपल्याक पटोवपाचो आसा. सुमनाक फुडें काडून शीला आपलें प्रेम उक्तावंक सोदता.

आनी कोणूय तरणाटो जाल्लो जाल्यार, एक गिरेस्तालें चली आपल्या सारक्या गरिबाकडेन लग्न जावंक सोदता म्हूण खोशेन भुरकुटून वतलो आशिल्लो. फाटलो-फुडलो विचार करिनासतना खिणांत हयकार दिवन मेकळो जातलो आशिल्लो. पूण प्रथमेश कांयच उलयलो ना. सुमनालें उलोवप ताणें हांशार व्हेलें आनी थंयच्यान कूस मारली.

:३१:

आयताराचो दीस आशिल्लो. मॅट्रोपॉलांत नवें पिक्चर लागिल्लें. पिक्चर ल्हान-व्हडांनी पळोवपा सारकें आशिल्लें. शीलाक थेटरांत वचून पिक्चरां पळोवंक आवडनाशिल्लें. इश्टिणींचे लगाडीन केन्नाय गेलें जाल्यार आवडीचे प्रसंग तितले पळोवन मन दुसऱ्याच विशयांत रमतालें ताचें.

आयजूय सुमन फाटल्यान लागलें म्हूण ताच्या वांगडा तें पिक्चराक गेलें. पिक्चर खऱ्यांनीच ताका मानवता तसलेंच आशिल्लें. मध्यांतर जाय मेरेन तें कदेलाक दसून रावलें. मध्यांतर जालें हाचें ताका भान उरलें ना. अकस्मात थेटरभर लकलकीत उजवाड जालो आनी येदो वेळ काळखांत बुडून आशिल्ल्या प्रेक्षकांची हालचाल सुरू जाली. कांय

लोक आपली सुवात सोडून पांय सैल करूंक भायर गेले.

इतल्यान शीलाच्या फुडले तिसरे रांकेंत बशिल्लो जीन पॅन्टीतलो स्मार्ट तरणाटो उठून भायर वचूंक लागलो. ताच्या फाटल्यान एक तरणाटी मोडत-मोडत चलताली. तिणेंय जीन पॅन्ट घाल्ली. केसांचो बॉबकटूय केल्लो तिणें. असल्या सवंगांचेर शीलाची नदर सट्ट करून वचना. सुमनाची नदर मात भिरभिरत, केन्ना कोणाचेर थीर जायत हें सांगूं नजो.

''शीला, हो पळय मामा मगो तुजो!'' सुमनान शीलाक हळू धोंगशीत म्हळें.

''म्हजो मामा? हॅट! म्हजो मामा न्हय तो! म्हजो मामा जीन पॅन्ट घालीना.'' शीलान सुमनाक पिशांत काडलें.

''आगो पळे तरी, दोगांय कशीं हातांत हात घालून चलतात तीं! तुजे मामान म्हूण सामकीच लज सोडली गो बाय!''सुमन भितरले भितर जळफळ्ळें.

''शॅट अप सुमन, जिबेक हाड ना म्हूण कित्या कितेंय बडबडूं नाका गो. म्हजो मामा तसलो न्हय आं, सांगून दवरतां.'' शीला आवाज भायर सोडिनासतना सुमनाचेर ताणशेलें.

''वोगीच शिताफुडें मीठ खावं नाका गो. हांव तुज्या मामाक वळखना? बरेऽ दोळे उकते कर आनी पळे. मागीर उलय कितें उलोवपाचें तें.''

शीलाक दिसलें सुमनाचो गैरसमज जाला. ना जाल्यार तें इतलें ठामपणान उलोवचें नाशिल्लें. पळोवया, ताचो गैरसमज पयस करूया म्हूण शीला फट्ट करून जाग्यावेलें उठलें. तरतरीत भायर गेलें. ताणें कँटीना दिकेन नदर मारली. दोगांय जीन पॅन्टवालीं हातांत हात घालून चलतालीं. चलतालीं कसलीं, धांवतालींच म्हणपाचें. फाटल्यान कोण येता बी तें पळोवपाचें कोणाच्याच ध्यानांत नाशिल्लें. जाता तितले वेगीं कँटीनातलें काम सोंपोवन तांकां थेटरांत परतपाचें आशिल्लें.

शीला लिपत-लिपत कँटीनाच्या लागसाराक गेलें. एका खांब्या

आडसाक अशे तरेन उबें रावलें की भास्कर-ताचो मामा फाटीं वळनासतना ताचें मुखामळ दिसचें.

शीलाची येवजण फळाक आयली. जोडपें हांसत-किटकिटत गल्ल्याकडेन वचून उबें रावलें. गल्लो तिरपो आशिल्ल्यान शीलाक मामालें मुखामळ बारकायेन पळोवपाची आयतीच संद मेळ्ळी. ताणें पॅन्टींतल्या हिरोचें तोंड परत-परत नियाळून घेतलें. तशें करपाचें कारण भास्करान आयज आपल्या केंसांक खाशेलो असो मोड दिल्लो. तसो मोड ताणें आपणाक आवडटा म्हूण दिल्लो काय आपले मोगीकेचे सांगणेन दिल्लो, हें सांगूंक जड आशिल्लें. कितेंय जावं, शीलाक खात्री जाली तो आपलो मामाच म्हण! आपूण शिटूक सुमना मुखार भद्रें आकाच थारलें. ओगीच चाळवलें आपूण ताचेर. आतां खंयच्या तोंडान वदूं की आपूण चुकलें. तेंच खरें आशिल्लें. अशे कितलेशेच प्रस्न आता शीलाच्या मनांत घोळूंक लागले.

जोडपें वळचे पयलींच शीलान थेटरांत धांव मारली. ताणें सुमनाची माफी मागली. थेटरांतले प्रेक्षक परत एक फावट काळखांत बुडटकच शीलान काळखांतल्यानूच थेटरा भायर धांव मारली. सुमनाक थंयच सोडून तें घरा दिकेन झपाझप पावलां मारीत चालीक लागलें.

सुमनाक दिसलें, शीला भायर गेलां, येतलें रोकडेंच. तें सिनेमा पळोवपांत इतलें गूंग जाल्लें की तें सिनेमा सोंपमेरेन शीलाक विसरलेंच.

सिनेमा सुटलो आनी सुमनाक शीलाची याद जाली. शीला भायर गेल्लें तें परत भितर आयलेंना हें ताच्या आता लक्षांत आयलें. तें दचकलें. तरी ताका एके जाणविकायेन मात्सो धीर आयलो. शीला सिनेमांत व्हडलो सो रस घेना, हें तें जाणा आशिल्लें. तेन्ना तें भायर गणयता बी जायत म्हूण धांवून ताचे सोदीक गेलें.

भायर वचून पळे जाल्यार शीला खंयच ना. तें रडपाक पावलें. ताका शीलाचो खूब राग आयलो. ताका सोडून गेलें तें गेलें. सांगून पूण वचपाचें न्हय? शीला बेशिस्त न्हय. ताचें कितेंय तरी बिनसलां आनी तें

बरे भशेन घरा पावलें आसतलें असो विचार करून सुमन आपल्या घरा गेलें. ताणें शीलाक घरसून फोन करपाचें थारायलें.

शीला घरा पावलें तेन्ना चोर पावलांनी भितर सरलें, ताका एकांत जाय आशिल्लो. मामी खंय आसा, हाचो ताणें अंदाज घेतलो. ती कुडीचें दार उकतें दवरून बाज्जेर सुस्त पडून आशिल्ली.

शीलाकूय तेंच जाय आशिल्लें. तें पावलांचो आवाज करिनासतना आपले कुडींत गेलें. लायट पेटयनासतना काळखाचो आसरो घेतलो ताणें.

कांय मननशील मनशांक मनन करपाक उजवाडा परस काळखाची गरज चड पडटा. अथीर मन थीर जावपाक काळोख मजत करता.

शीलाचें मन आयचे इतलें उचंबळ हे आदी केन्नाच जालें ना. आयज ताच्या मामान ताच्या विस्वासाक खर धपको दिल्लो. ल्हानपणांत सावन शीला आपल्या मामाक मोगा वांगडा मानूय दीत आयिल्लें. एकच मामा आनी एकच भाची जावन आशिल्ल्यान दोगांमदें स्नेह आनी लोभ इल्लो चडूच दिसून येतालो. तांचेमदलें हें प्रेम वयलेतरांचें नाशिल्लें. एकामेकांचे ओडींतल्यान निर्माण जाल्लें प्रेम आशिल्लें तें! पूण आयज मात शीलाचे दिश्टीन ताच्या मामाचे प्रतिमेक काळो दाग लागिल्लो.

ह्या फुडें शिलाची नदर ताच्या मामाचेर मुजरत ना, तरी सहज पडटलीच. तेन्ना शीलाक सगळ्यांत पयलीं दिसतलो- आठवतलो तो मामाक लागिल्लो अदृश्य काळो दाग! हो एकूच दाग मामा भितर आशिल्ल्या समस्त सद्गुणांचेर पांगरूण जावन बसतलो. आनी हें पांगरूण दिशीं-दिशीं झिरझिरतलें. ताका बोथे पडटले. ह्या बोथ्यांतल्यान मामालें काळें कर्तुब जगजाहीर जातलें. तशें जालें म्हूण सद्याचे परिस्थितींत कोणाक व्हडलें शें कांयच दिसचें ना. भास्कराक वळखतात ते लोक ताका थोडे दीस हांसतले, ताची निंदा करतले. कारण आपली लग्नाची बायल आसतना दुसरे चलये वांगडा मजा मारप, हें सभ्य समाजाक मान्य नासता. समाजाचे आनी धर्माचे दिश्टीन तें पाप आसता.

अशें आसलें तरी समाज भास्कराक चार दीस वांकडे नदरेन पळेतलो. मागीर पाडा पडना, आपल्याक कितें पडलां, म्हूण जणेकलो, विशय नदरे आड करून आपापल्या कामाक लागतलो.

मात त्रास जातले ते घरच्यांक. आजो–आज्जेक ही खबर कळ्ळ्यार तीं पिकासांवान चड दीस जगूंक पावचीं नांत.

शीलाचो आजो–आवयचो बापूय–एक आदर्श शिक्षक म्हूण नामना जोडिल्लो. तो फक्त भुरग्यांचोच गुरूजी नाशिल्लो, समाजशिक्षकूय म्हूण मडगांव आनी मडगांवां भायरय तो फामाद आशिल्लो. आयजय आसा. एका आदर्श शिक्षकालीं भुरगींय आदर्श आनी बरे देखीचीं आसतलीं, अशें समाज आपलो समज करून घेता आनी तो चुकीचोय नासता. दुर्गे–शीलाची आवय– हाचो पुरावो म्हणूं येता.

गुरूजीन दिल्ल्या संस्कारांचो उपेग करून दुर्गान आपल्या आवय–बापायचें नांव राखलें. भास्कराकडल्यानूय लोकांची आनी ताच्या घरच्यांचीय तीच अपेक्षा आशिल्ली. पूण भास्करान थारावन सगळ्यांचो अपेक्षाभंग केल्लो.

आमच्या जाण्ट्यांनीं म्हणून दवरलां, मनशान हातरूण पळोवन पांय सोडचे. हार उडटा म्हूण गायंडोळान उडचें न्हय. हाचो अर्थ असो, की मनशान आपले ताकती प्रमाण वेव्हार करचो. एकाद्र्या गरिबान श्रीमंताकडे संबंद दवरपाचो प्रयत्न करचो न्हय. नातें तर केन्नाच जोडचें न्हयच. इतलेंच कित्याक? आपल्या नात्यांतलो कोणूय श्रीमंत आसल्यार ताच्यापसून जाता तितलो पयस रावप हें हिताचें आसता.

शीलाक हाचो विचार करपाची केन्नाच गरज पडली ना. ताच्या मामाच्या करण्यांनी आतां ताचे दोळे उकते जाले. ताच्या मामान व्हडलें जगावेगळें कांयच करूं नासलें. असलीं कर्मा जगार सर्रास घडटात. श्रीमंतांल्या कुटुंबांनी तर भास्करा असले दिवटे आसताच. पूण समाज तांकां बोट दाखयना. श्रीमंतान–सत्ताधीशान शेण खालें जाल्यार वखदाक

आनी गरिबान खालें तर तें भुकेक खालें, अशें समाज मानता.

दुर्ग्यान शीलामुखार गरीब-श्रीमंतीचो विशय केन्नाच काडलो ना. ह्या विशयाक ताणें केन्नाच व्हडलें म्हत्व दिलें ना. आपलो बापूय धनसंपत्तीन गरीब आसलो, तरी तो मनीस म्हूण आपल्या घोवा इतलोच मानाचो आसा, अशेंच मानीत आयिल्लें दुर्गे.

गजेंद्रानूय दुर्ग्याक केन्नाच उणाक मानलें ना. ताचे दिश्टीन दुर्गे मनान श्रीमंत आसा तितलेंच पुरो आशिल्लें. धनाचे श्रीमंती परस मनाची गिरेस्तकाय व्हडली आशिल्ली गजेंद्राक!

हांगा घोव-बायल सगळेच बाबतींत राजी आशिल्लीं. आयज मेरेन सुखान चलतालो तांचो संवसार. शीलाकूय आपल्या आवय-बापायचो, आपल्या मामा-मामीचो, आपल्या आजो-आज्जेचो अभिमान दिसतालो. एक काशीबाय सोडली जाल्यार सगळीं मनशां सुसंस्कृत आनी बरे देखीचीं दिसतालीं आनी खऱ्यांनींच तशीं तीं आशिल्लींय बी. ह्या सगळ्यांकडल्यान आनी मुळाव्या शाळेंतल्यान बरी देख मेळिल्ली शीलाक. वायट बरें कितें तें तांच्या कडल्यानूच शिकिल्लें तें. पूण आयज आपल्या मामान आपल्या नाकाक चुनो लावन घेतलो तो घेतलोच, शिवाय कुटुंबातल्या जणेक वांगड्याक तकली वयर करून चलपाची सोय दवरली ना ताणें!

दोनूय कुटुंबातल्या हेर वांगड्यांचें कशेंय जावं, शीलाक चड काळजी आशिल्ली ती आपले आवयची. आपल्या मनशांकडल्यान कितेंय नसतें घडल्यार दुर्ग्याक सोंसनासलें आनी आता तर आपलो खाशेलो भाव कुळाचार सोडून, मानमर्यादा कडासेक खोवन निर्लज्जपणान गांवभर हेडटा, खुशालचेंडू कसो! आपूण कोण, आपलो संबंद कोणाकडे आसा, व्हडल्या नावाजत्या नायक घराण्यांत आपली भयण लग्न करून गेल्या. आपलो बापूय एक आदर्श शिक्षक आनी समाजसेवक. एका कोट्याधीशाक लोक जितलो मान दिता त्याय परस चड मान समाज भास्कराच्या बापायक तेन्नाय दितालो आनी आयजय दिता. एका आदर्श

शिक्षकाचीं आदर्श भुरगीं म्हूण लोक तांकां वेगळे नदरेन पळोवन मान दितालो. पूण आयज भास्कर कुपूत निपजलो. ताणें आपल्या आवय-बापायचो मान-अब्रू मातये भरवण करून उडयलो.

हो सगळो विचार करून शीला काळखा कुडींत पडून एक सारकें तळमळटालें. मदें-मदें बुळुबुळू करून रडटालें. थोड्याच वेळान ताणें आशिल्लीं-नाशिल्लीं दुकां गळोवन हातरूण भिजोवन ओलेंचींब केलें.

शीलाक आता फुडें चड वेळ हातरूणाचो वांगोड करीत बसप शक्य नाशिल्लें. आता रातीचीं धा वरां जावंक आयिल्लीं. सिनेम साडेणवांक सुट्टा. थेटराकडसून घरा पावता म्हणसर भास्कराक उणेंच अर्दवर लागतलें, हाची शीलाक कल्पना आशिल्ली. कदाचीत आयज उशीरूय जावपाचो अंदाज आशिल्लो. कारण ताच्या वांगडा अप्सरा आशिल्ली. अप्सरा? हय. भास्कराचे नदरेन ती आधुनीक अप्सराच आशिल्ली.

शीला बाज्जेवेलें उठलें. लायट पेटयली.

‘‘मामी, हांव आयलें गें!’’ शीलान आतांच भायर सावन आयिल्ल्याचो अभिनय केलो.

‘‘आयलें गो शीला! बरें जालें बाये. रातीचें घरांत एकटेंपण सोंसना गो बाये. घर खावंक येता शें दिसता.’’ सुटिल्ले केंस बांदीत निर्मलान म्हळें.

‘‘आतां हे फुडें तुका एकटेक सोडून रातीचें खंयच वच्चें ना हांव. नाका म्हाका सिनेमां-नाटकां.’’ शीलान उबगणेच्या सुरांत म्हळें.

‘‘कित्याक गो, अशें निर्शेल्ल्यावरी उलयता? बरोऽ सिनेमा लागल्यार पळोवंकूच जाय तुजे असल्या भुरग्यांनीं.’’

‘‘तुजे असल्या भुरग्यांनी म्हणटा ती तूं कितें म्हातारी जाल्या तर गे मामी?’’

‘‘म्हाका आवडटा गो थेटरांत वचून सिनेमा पळोवंक. तुजे वांगडा येवंक आवडटलें आशिल्लें म्हाका. पूण कितें करूं? घर बंद करून

भायर गेलें, आनी हांगा कोणेंय येवन दारार मारलें जाल्यार? शार हें, रातीचो लेगीत दिसूच दिसता.''

''बरें जालें तूं म्हजे वांगडा आयली ना तें. आयिल्ली जाल्यार पड्ड्या भायलो नवो सिनेम पळोवन थंयचे थंयच घुंवळ येवन पडटली आशिल्ली तूं.''

''हांव घुंवळ येवन पडसारकें अशें कितें तरी घडलें गो बाये थंय?'' निर्मलान उत्सुकतायेन प्रस्न केलो.

''सांगतलें तुका हांव. पूण आता नाका. आता सांगल्यार रातभर न्हीद पडची ना तुका?''

हें आयकून निर्मलाची उत्सुकताय वाडली. आपल्या घोवाविशीं शीला कितेंय तरी सांगतलें, हाची निर्मलाक कल्पना नाशिल्ली. सिनेमा थेटराकडे कितें घडलां, आनी आपलो ताचेकडेन कितें संबंद हाची खबर निर्मलाक रोखडी जाय आशिल्ली. ते पासत तें उतावळें जाल्लें. घडिल्ले घडणुकेची पुराय म्हायतती जाणोवन घेवची म्हूण शीलाकडे तें हट्ट धरपाचेंच आशिल्लें, तितल्यान 'टिन-टाँव' करून दाराची बॅल वाजली. निर्मल झडझडीत दाराकडे गेलें. ताणें दार उक्तें करून भास्कराक भितर घेतलो.

भास्कर आयज चडच खोशेंत आशिल्लो. ताणें शीलाक दाराकडेच रावन 'बायूऽल' म्हूण उलो मारलो. तो खोशेंत आसतकच शीलाक 'बायूल' म्हूण उलो मारता.

मामा भायर सावन येतकच शीला खंयीं आसल्यार धांवून मामा म्हऱ्यांत येतालें. मामा घरा आयिल्ल्याची सुलूस लागल्यार पुरो, शीलाच्या मुखामळार खोशी पातळिल्ली दिसताली. हें शीलाच्या भुरगेपणांत सावन अशेंच चलतालें. शीला मागीर आपल्या घरा आसूं वा मामागेर.

आयज हो नेम भंगलो. भास्करान मोगान मारिल्ल्या उल्याक शीलान आयज जाप दिली ना. भास्करान उलो मारतांच शीला ताका फाट करून

भितर गेलें. भास्कर अजापलो. कितें घडलां तें समजूंक मार्ग नाशिल्लो ताका. निर्मलूय आता चडूच गोंदळांत पडिल्लें. घोव-बायल एकामेकाच्या तोंडाकडेन पळेत रावलीं. शीलाच्या मनांत कितें चल्लां तें कोणाक खबर नाशिल्ली.

भास्कराच्यान चड वेळ दुबावीत अवस्थेंत रावंक जायना जालें. तो आंगावेली मुस्तायकी देवयनासतना शीलाचे कुडींत गेलो.

थंय पळेत जाल्यार शीला बाज्जेर उमथें पडलां. उशा पोंदा तकली मुंगरून मुसमुसून रडटा.

"बायूल, कितें जालें गो बाय! कित्याक रडटा तूं अशें?"

शीलान तकली वयर काडली ना. ताचें मुसमुसप वाडलें. भास्कराक आता कितें करचें समजना जालें. तो निर्शेलो. शीला अशें रडटा तें ताणें केन्नाच पळोवंक नाशिल्लें. ताका शीलाची काकुळट दिसली.

"बायूल, अशें रडूं नाका गो बाये. कितें जालां तें तुज्या मामाक सांगचें ना तूं? तूं अशे तरेन रडटा तें म्हज्यान सोसूंक नज गो बाय! केन्ना मेरेन तूं अशें रडत रावतलें? तूं तुजें मन उकतें करिना जाल्यार तुज्या मनांत कितें आसा तें आमकां कशें कळटलें?"

अशें म्हणत भास्करान शीलाच्या केंसांचेर मायेन हात भोंवडायलो. मात बदनाम मामाची माया शीलाक रूचली ना. भास्कर एक बायलवेडो दादलो. असल्या दादल्याकडे आपलें नातें तिगोवन दवरूंक शीलाचें मन आतां कशेंच तयार नाशिल्लें. ताणें भास्कराक जाप विचारून घडणुकेचो सोक्षमोक्ष लावपाचो निश्चेव केलो.

ताणें आता भास्कराचो हात रागान धुकलून दिलो. रडपाचें बंद केलें. दुकां पुसलीं. उठून बाज्जेर बसलें. भास्कराक रागान पळेलें. ताणें चिंतलें. जाप विचारप हांगा नाका. भायर मामी आसा. तिच्या सामकाराक कितें जाता तें जावंदी. तिकाय तिच्या प्रस्नाची जाप मेळटली.

"मामा, भायर यो. तुका कितें विचारूंक जाय म्हाका." शीला भास्कराक थंय सांडून तडतडीत भायर गेलें. ताच्या फाटल्यान गोंदळांत

पडिल्लो भास्कर उत्सुकतायेन भायर आयलो.

‘‘मामा, खरें तें सांग आं! आयज तूं खंय गेल्लो?’’ आवय एका भुरग्याक प्रस्न विचारता तसो शीलान भास्कराक केलो. ह्या प्रश्नान भास्कर चड्डूच गोंदळांत पडलो. हें आपल्याक अशें कित्याक विचारता काय? मोना वांगडा सिनेमाक गेल्लों तें हाका बी कोणें सांगूना मू?

‘‘आयज कितें जालां गो तुका? म्हजी झडती शी घेवंक लागलां? बरें आसा मगो तूं?’’ भास्करान काचाबूल जावन प्रस्न केलो.

‘‘म्हज्या प्रस्नाची ही जाप न्हय मामा! आयज सांजवेळा तूं खंय गेल्लो?’’ शीलान दोळे मोटे करून आवाज चडयलो. आता मात भास्कराक फटीचो आदार घेतल्या बगर दुसरो पर्याय उरलो ना.

‘‘हांव पणजे गेल्लों. म्हज्या एका फ्रेंडान आपयल्लो म्हाका.’’

‘‘मामा तूं फट उलयता.’’ शीला तापलें.

‘‘हांव कित्याक फट उलयतलों?’’

‘‘परतीय फटीर फट! मामा, तूं अशो कितल्यो फटी मारतलो? तूं एके चलये वांगडा मॅट्रोपॉलांत सिनेमाक वचूं नाशिल्लो?’’ हें आयकून भास्कराक कच्च जालें.

‘‘तुका कोणें सांगलें, हांव कोणा वांगडा सिनेमाक गेल्लों तें?’’ भास्कराच्या कपलाक मिरयो पडल्यो.

‘‘मामा, म्हातारेन कोंब्याक धापून घालो म्हूण सकाळ जावपाची रावना रे! हांवें म्हज्या ह्या दोळ्यांनीं पळयला तुका एके चलये वांगडा.’’

‘‘तुवें कोणाक पळयला देवाक खबर!’’

‘‘कित्या कितेंय उलोवं नाका रे मामा ! हांवें एकट्यानूच पळोवंना तुका. सुमन आशिल्लें म्हज्या सांगाताक. ताणेंच दाखोवन दिलो तुका आनी तुजे ते हिरोयिणीक. जाणा मामी, हीं दोगांय जाणा जीन पँटी घालून सिनेमांतल्या हिरो-हिरोयिणीवरी थेटरा भायर भोंवतालीं. हातांत हात घालून कितें हांसतालीं, कितें फुतफुत्तालीं! मामा सोबता रे तुका हें? आनी ती जीन पँट खंय सोडून आयलो रे तूं?’’

भास्कराक आता उलोवंक तोंड नाशिल्लें. शीलान ताका पुराव्यासयत पकडिल्लो. शीला एकटें आशिल्लें जाल्यार घडये हात वयर करीत आशिल्लो, पूण हांगा गवाय दिवंक सुमन आशिल्लें. शीला परस भास्कराक सुमनाचोच आता चड राग आयिल्लो. 'पाडा पडूं त्या रांडग्याचें.' अशें म्हणून भास्करान मनांतल्या मनांत सुमनाक सभ्यतायेची गाळ घाली. सभ्यतायेची हे खातीर म्हणपाची की, हाचे परस खर कुसक्यो गाळी ताका येताल्यो. पूण त्यो ताच्या तोंडांतल्यान भायर पडल्यो नात. कितलेंय जालें तरी आपूण एका शिक्षकाचो-मुख्याध्यापकाचो पूत हाची जाणविकाय आशिल्ली ताका. आपली धर्मपत्नी आसा. तिका फटोवन परके बायले वांगडा नाचचे आदीं, आपूण एक गुरूपुत्र आसा हाची जाणविकाय ताका आशिल्ली जाल्यार कितलें बरें जातलें आशिल्लें? जांचो संबंद मानेस्तांकडे आसता, तांचेर व्हडली जापसालदारकी आसता. ना तर कुसको आंबो पुराय राशीचो इबाड करून सोडटा.

शीलान निर्मला हुजीर भास्कराचो पाणउतारो केलो. भास्कराक तें साप्प मानवलें ना. निर्मलाचें ताका व्हडलें-शें कोंत नाशिल्लें. पूण शीला मुखार तो उबो रावंक शकलो ना. मान खाला घालून मोन्यानी तो आपले कुडींत गेलो.

भास्कराक आपले करणेचें पिकासांव जालें. पूण तो सुदारपाचे मेरे भायर पाविल्लो. मनांत हाडलें तरी तो स्वताक सुदारूंक शकनाशिल्लो. ताची सांगातीण ताका कशीच सोडी सारकी नाशिल्ली. शिवाय एकदां चारित्र्याक लागिल्लो दाग पुसून उडोवप आता ताच्या हातांत नाशिल्लें.

चारित्र्यसंपन्न मामा-मामीच्या आसऱ्याक मेकळेपणान जिवीत सारतलें म्हूण शीला मामागेर आयिल्लें. मामालें खरें रूप ताका तेन्ना कळूंक नाशिल्लें. सुशील आनी सुशिक्षीत आवयचो पदर सोडून मामागेर आयिल्ल्याचो पश्चाताप आता ताका जावंक लागिल्लो. हे फुडें कुलक्षणी मामाचें तोंड लेगीत पळोवपाची इत्सा नाशिल्ली शीलाची.

आनी एके गजालीक लागून शीलाची अस्वस्थताय तेंगशेक

पाविल्ली. इतलें सगळें घडून निर्मलाचेर कसलोच परिणाम जालो ना हाचें ताका अजाप दिसतालें. भास्कराचें कुकर्म निर्मलाच्या कानार पडचें म्हूण शीलान भास्कराची तासमपट्टी निर्मला सामकारा केल्ली. हे तासमपट्टेन निर्मलाच्या रागाचो पारो चडटलो, तें फणफणटलें, आदळ-आपट करतलें, घर सोडून वचपाची धमकी दितलें अशें शीलाक दिशिल्लें. पूण तें निर्विकार आनी शांत चेऱ्यान वावुरतालें. शीला रागाभारान, भायर आवाज वचचो न्हय म्हूण दारां बंद करून, टीव्हीचो आवाज मोटो करून ताणशेतालें तेन्ना निर्मल एका कदेलार बसून,चेऱ्यार उसणें हांशें हाडून सगळें पळेत आशिल्लें. अशे भशेन की आपूण त्या गांवचें न्हयच. हो प्रस्न मामा-भाच्चेचो. तो तीं दोगांय पळोवन घेतलीं.

निर्मलान घेतिल्लो पवित्रो शीलाक मानवलो ना. निर्मल अशे तरेन वागतालें, जशें कितें व्हडलें-शें कांयच घडूंक ना. जें कितें घडलां तें आपल्याक नवें न्हय.

शीलाचें मन आता हळुहळू जागें जावंक लागलें. भास्कर जायते फावट उसरां घरा येतालो. निर्मल ताची वाट पळयत बसतालें. शीलाक दिसतालें, आपलो मामा कसल्याय कामाक लागून भायर आसता जावंये. तसलेंच कितेंय गरजेचें काम आसल्या बगर आपले मामीक सोडून भायर रावचो ना तो. आपले मामीचेर ताचो खूब मोग आसा. ताच्या वागण्यावेल्यानूच तशें दिसून येतालें.

भास्कर उसरां घरा येतालो तेन्ना मामी-भाची व्हड रात मेरेन चकाटां मारीत बसतालीं. दोगी इश्टिणी मारीत बसतात तशीं. निर्मलाक शीला आपल्या म्हऱ्यांत बशिल्लें जाय आशिल्लें. पूण तें म्हूण केदी रात मेरेन जागें रावतलें? धा वरां जातां जातां ताका न्हीद तुकलायताली. निर्मलाच्या तें लक्षांत येतालें. मागीर आपूण जावन तें शीलाक न्हिदे सुवादीन जावपाची खूण करतालें. शीलाक उजवाडाचो त्रास जावचो न्हय म्हूण लायट पालोवन हातरूणार पडटालें. अशें करतना निर्मलाच्या चेऱ्याचेर केन्नाच खंत म्हण दिसली ना. मामा येदी रात मेरेन भायर कित्याक रावता हें

विचारपाचे भानगडींत शीला केन्नाच पडलें ना. ताका दिसतालें, हे विशीं मामीक विचारचें, पूण तांच्या खाजगी जिवितांत आपणें कित्याक पडचें, म्हूण शीलान मामीकडेनूय हो प्रस्न केन्नाच काडलो ना.

आजच्या प्रसंगावेल्यान शीलाच्या लक्षांत आयलें आपलो मामा दिसता तसो सादो-भोळो ना. ताचे खावपाचे आनी दाखोवपाचे दांत वेगळे आसात. तो आपले बायलेक त्रास दिता आनी आपली मामी तें मोन्यानी सोंसता. हातूंत मामा परस मामीचो व्हडलो गुन्यांव आसा. आता प्रकरण हाताभायर गेल्लें आसा. मामीक जाप विचारून आता कसलोच आदाव ना. तरी तिच्या भविश्याक बळगें हाडपाक मामीक जाप विचारल्या शिवाय दुसरो पर्याय नाशिल्लो शीलाकडे!

सुखी जिविता खातीर कुटुंबांत सुवेवस्ता आसपाची चड गरज आसता. आदले तेंपार मनशां एकठांय आसतालीं. एकमेकांमदें ओड आसताली. आसताली म्हणचे परस ताची निर्मणी करची पडटाली. तातुंतल्यान माया वाडटाली. धनदौलती परस माये-मोगाची गिरेस्तकाय सदांच चड मोलादीक आसता. माया कुटुंबाक जोडपाचें काम करता तर भाटां-बेसां तोडपाचें.

भास्कर आवय-बापायचो एकलोच चलो भुरगो. एकठांय राविल्लो जाल्यार भास्कर आवय-बापायच्या धेंकांत उरतलो आशिल्लो. भास्कराक आवय-बापायची आडखळ जावपाचें कारण नाशिल्लें. फाव तितली सुवात आशिल्ली घरांत. सगळीं एकठांय आशिल्लीं जाल्यार, घर बंद करून भायर वचपाची पाळी येवची नाशिल्ली निर्मलाचेर.

भारतीय संस्कृतायेंत एकत्र कुटुंबाक चड म्हत्व आसा. हे कुटुंबपद्दतींत भुरग्यां-बाळांचेर बरे संस्कार घडोवंक वाव आसता. सोयरेधायरे केन्ना ना केन्ना एकठांय जातात. स्नेह वाडीक लागता. घराब्याक सोब येता, बळ मेळटा.

हाची जाणविकाय गुरूजीक आशिल्ली. तरी ताणें तडजोड म्हूण सून-पुताक शारांत सोडून आपले जमनीची राखण करपाक खेड्यांत

वचून रावलो गुरूजी.

गुरूजीचे धा सोंपून पांच उरिल्ले, तरी आपल्या पुताच्या सुखा खातीर ताणें शार सोडलें. सोडचे पयलीं ताणें विचार केल्लो, आपलीं भुरगीं सुसंस्कारी आसात, आवय-बापायच्या, घराब्याच्या आनी सोयऱ्याधायऱ्यांच्या नाकाक चुनो लावपाचें दुश्कर्म तांचेकडल्यान केन्नांच घडचें ना हाची पुराय खात्री गुरूजीक आशिल्ली. पूण गुरूजी हारलो. गुरूजीक हारोवपाची माण्णी भास्करान लग्ना आदींच करून दवरिल्ली.

:३२:

भास्कर-निर्मल एकेच शाळेंत काम करतालीं. दोगांय शिक्षकेतर कर्मचारी आशिल्लीं. सकाळीं णव ते सांजेचीं पांच मेरेन स्कुलांत रावचें पडटालें तांकां. उपरांत निर्मल नीट घरा येतालें आनी भास्कर थंयच्यान नाच्च जातालो. मोना ताची थारायल्ल्या थळार वाट पळेत तिश्ठतालें.

कोण हें मोना? मिस मोनाचें पुराय नांव आशिल्लें मिस मोना पांडुरंग नागेशकार. ताणें आपलें मुळचें गंगें नांव बदलून मोना नांव घेतिल्लें. बापायचें पांडुरंग हें नांवूय ताका आवडनाशिल्लें. मोनान तें बदलपाचो खर येत्न केल्लो, पूण पांडुरंग ताका कसोच बदलो ना.

मोना त्याच स्कुलांत शिक्षिका आशिल्लें. मोना-भास्कराचो मोग कळेलो. मागीर तो फुलत गेलो. आपलो मोग चड लोकांक कळचो न्हय हाची काळजी दोगांनीय घेतिल्ली. शारांतले दादले-बायलो कसल्या ना कसल्या कामा निमतान एकठांय जातात. तांचेमदें मोगबीग चल्ला काय कितें हाचो सोद घेवपाचे भानगडींत कोण पडना.

मोना-भास्कराचे बाबतींतूय तशेंच घडटालें बी जावंये. पूण तांचो मोग कसो शिजता तो निर्मल माजरा दोळ्यांनी पयस रावन पळयतालें. पळोवन पळोवना ते भशेन करीत रावलें तें आयजमेरेन. शीला आपल्या मामाक उजरायतालें तेन्ना निर्मलाचेर कसलोच परिणाम जायनासलो हाचें कारण तेंच आशिल्लें.

उदकांत घाण सोडिल्ली उफेल्या बगर रावना अशी एक म्हणणी समाजांत घोळटा. म्हातारेन कोंब्याक धापून दवरलो म्हूण सकाळ जावपाची रावना. मनशान आपलीं पातकां लिपोवन दवरलीं म्हूण एक ना एक दीस तीं उक्ताडार पडले बगर कशींच रावनांत. भास्करान केल्लें पातक निर्मल दोळ्यां आड करीत रावलें. पूण शीलाचे नदरेंतल्यान तें कशेंच सुटलें ना. हाकाच म्हणटात ईश्वर करणी!

शीलाचे दिश्टीन जाण्टेल्यांनीं केल्ल्या पातकाक भोगसणी नासता. निर्मल जाण्टें आशिल्लें. वर्सांनी न्हय तर गिन्यानान. आपलो घोव वांकड्या मार्गान वता हें तें जाणा आशिल्लें. तरी ताणें आपल्या घोवाल्या पापकर्माक आडमेळें हाडलें ना. घोव कितें करता तें पळेत रावलें. आपलो पत्नीधर्म पाळूंक नाशिल्ल्यान भास्कराक भायलो छंद लागलो. ताका लागून एका तत्वगिन्यानी आनी आदरशील शिक्षकाच्या घराब्याची अब्रू वाऱ्यार पडली. अशें घडपाक निर्मल कारणीभूत आसा, गुन्यांवकारी आसा, अशें शीलाचें मत्त जालें.

निर्मल शीलापरस व्हडलें. ल्हानांनी व्हडल्यांचें आयकूंक जाय, व्हडल्यांक परती जाप दिवची न्हय अशी आमची रीत आसा. जाण्टे भुरग्यांक हेंच शिकयतात. निर्मलाचीय शीलाकडच्यान हीच अपेक्षा. पूण शीला वस्ताद. तें निर्मलाक सोंपेपणान कशें सोडटलें? शीलाचो संबंद दोनूय घराब्यांकडे आसा. दोनूय घराब्यांची अब्रू ती शीलाची अब्रू. घराब्याचो एक वांगडी कुळाक कलंक लायता आसतना शीला ओगी कशें बसत? तें आतां मामालें घर सोडटलेंच. ताचे पयलीं सताखातीर, ल्हान-व्हडाचो विचार करिनासतना ताणें आपले मामीक जाप विचारपाचें थारायलें.

शीलाक मामीक जाप विचारपाक एकांत जाय आशिल्लो. घर सकाळचें मनशांनी रिकामें जातालें. शीलाकडे एक चावी आसताली. शीला कॉलेजीसावन आयल्या उपरांत वावराडी येताली. शीलान आपले मर्जेन वावराडेक सुटी दिली. हेत हो की सांजेच्या वेळार मामी-भाच्चे

शिवाय घरांत कोणूच आसचो न्हय.

शीला अजून फुगडो धरून आशिल्लें. निर्मल मात सदांभशेन शांत आनी निर्विकार चेरो घेवन वावुरतालें.

आता सांजेंची पांच वाजून गेल्लीं. निर्मल थकून-भागून घरांत शिरलें. हात-पांय धुवन कदेलाचेर बसलें. शीलान च्याचें चिक्र हाडून निर्मलाच्या हातांत दिलें.

"आयज तुवें-शी च्या हाडली गो? तुळशी खंय गेलें तर?" निर्मलान चिक्र तोंडाक लायत प्रस्न केलो.

"तुळशी आयलेंना आयज. हांवेंच येवं नाका म्हूण सांगलें ताका." फुगिल्ले गाल आनीक फुगोवन शिलान म्हळें.

"कित्याक गो बाय, तुळशीक कित्याक रजा दिली तुवें?"

"म्हाका एकांत जाय आशिल्लो. तुजेकडे कितें उलोवपाचें आसा म्हाका." शीला कडकसाणीन उलयलें.

"हांव जाणां." निर्मल मुमुरख्यांनी हांसलें.

"तूं जाणां? कशें गे मामी! म्हज्या मनांतलें तुका कशें कळ्ळें?"शीलान अजापीत जावन म्हळें.

"शीला, तुजीच मामी हांव. तुज्या मनांतलें म्हाका समजना जाल्यार आनी कोणाक कळटलें? तुजे मामाचो गूट तुका कळ्ळो आनी तुका धक्को बसलो. मामान करूंक फावनाशिल्लें केलें, तुका राग आयलो. येवपाचोच. रागा भरार तूं खूब उलयलें. हांव तें थंडसाणेन आयकत रावलें. आनी दुसरो पर्यायूच नाशिल्लो म्हजेकडेन."

"तशें उलोवं नाका मामी तूं. तुवें मनांत हाडिल्लें जाल्यार खूब कितें करूंक शकताली तूं. धर्मपत्नी तूं ताची. तुवें ताका इतलो सैल सोडूंक फाव नाशिल्लो." शीला पुस्तकी गिन्यानाच्या आदारान उलयलें.

"कोणाकूय सैल सोडटलो जाल्यार आदीं ताका बांदून दवरपाची गरज आसता. हांवें तुज्या मामाक केन्नाच बांदून दवरपाचो विचार केलो ना गो शीला!" निर्मल एके पोक्त बायलेवरी उलयलें.

“चुकली तूं मामी. तसो विचार केल्लो जाल्यार प्रकरण हाता भायर वचचें नासलें आं, म्हाका तरी तशें दिसता.”

“म्हणचे तुज्या मामाचेर हांवें शेक गाजोवपाचो म्हणटा मगो तूं?” निर्मलान शीलाच्या मनांतलें उलोवन दाखयलें.

“हय, म्हाका तशेंच म्हणपाचें आसा. एक बावळट आनी मागास काकूबाय कशी वागली तूं ताचेकडेन.” कागाळीच्या सुरांत शीला उलयलें.

आपल्याक काकूबाय आनी बावळट म्हळें म्हणून निर्मलाक शीलाचो राग आयलो ना. ‘बावळट’ ह्या उतराचें ताका कोंत नाशिल्लें, मात आण्टीपरस काकूबाय बरी, अशें निर्मलाक मनापासून दिसतालें. काकूबाय शांत आनी सोशीक आसता. ती मायेस्त आसता. ती भारतीय संस्कृतायेंत मुरिल्ली आसता. ती शिटूक आसता, शादूर आसता आनी वेव्हारीय आसता. हां, खंयी तरी एकाद्री काकूबाय बावळट आनी अभद्री आसूं येता. ताका लागून सगळ्यांक कोणे एके माळेंत गुंतपाचो येत्न करचो न्हय. आपल्याक काकूबायांचो अभिमान आसा म्हणपाचें निर्मलान शीलाक उलोवन दाखयलें.

‘आपल्याक काकूबायांचो अभिमान आसा’ अशें निर्मलान म्हळें तें आयकून शीला मात्शें-शें मोव पडलें. शीलाकूय काकूबायो आपल्योशो दिसतात. ताकाय आपल्या मनशांक कोणें आंट्यो-अंकल म्हणिल्लें आवडना. पूण बायलांनीं दादल्यांक व्हड मानप, तांच्या दुश्कृत्यांक मान्यताय दिवन तांच्या फाटल्यान लेमेलेमे करप, वेळ प्रसंगार तांचीं उलोवणीं -मार खावप, हें मात शीलाक मान्य नाशिल्लें. हाकाच लागून शीलान निर्मलाक मागास आनी काकूबाय म्हणिल्लें. शीलान काकूबायचो अर्थ घेतिल्लो अशिक्षीत-अडाणी बायल!

भास्कराचो गूट फुटचे आदीं शीलान निर्मलाचेर वयले वयर लक्ष दिल्लें. आपल्या घोवाक पतीदेव मानिल्लेवरी वागतालें निर्मल! भास्कर घरा केन्नाय येतालो, केन्नाय वतालो. कितेंय खातालो-कितेंय जेवतालो.

खूबदां अकरा-बारा वरां रातीर लेगीत भितर सरतालो. भास्कराच्यो ह्यो करण्यो साप्प सोंसनासल्यो निर्मलाक. दीस-रात तें खंती जातालें. फुगासांव जातालें ताका. खूबदां एकांत सादोवन रडलांय बी तें बुळुबुळू करून. पूण आपलें दुख्ख ताणें प्रदर्शीत केन्नाच केलें ना. हांसत्या चेऱ्यान वावुरलें तें आपल्या मनशांमदें! आपलें दुख्ख चंवाट्यार घालचें अशें केन्नाच दिसलें ना ताका. चंवाट्याचें भंगूं, आपल्या कुटुंबातल्या खंयच्याच मनशाकडे ताणें आपल्या घोवाची कागाळ केली ना. आनी कागाळ केल्लीय जाल्यार साध्य कांयच जावपा नाशिल्लें, हाची जाणविकाय निर्मलाक आशिल्ली. शीला प्रमाण हेरूय निर्मलाकूच दोश दिवन मेकळे जातले आशिल्ले.

निर्मलान आपल्या घोवांतल्या वायट गुणांचें समर्थन केन्नाच केलें ना. पूण ताच्या सद्गुणांकडे दुर्लक्षूय करूंक शकलेंना तें.

भास्कराक निर्मल खूब आवडटालें. तो ताचेर खूब माया करतालो. पूण ताका तें स्मार्ट दिसनासलें. भास्कराचे इश्ट आनी तांच्यो बायलो ‘व्हाय-फाय’ वर्गांतल्यो आशिल्ल्यो. तांच्यामदें लांब केसांच्या, साडीधारी निर्मलाक व्हरपाक तो फाटीफुडें जातालो. निर्मल तर आपले केंस कापूंक तयार नासलें. जीन पँन्ट चडोवंक तयार नासलें, फाडफाड इंग्लीश उलोवंक शकनासलें. मागीर भास्कर पार्टनरा शिवाय पार्ट्यांक कसो वतलो? पिकनिकांक कसो वतलो? भास्कर तर आधुनिक जगांतल्या आधुनीक फ्रेंडापसून पयस रावंक शकनासलो.

निर्मल समजीकायेचें आशिल्लें. आपल्या घोवाक हातांत हात घालून भोंवता तसली जोडीदारीण जाय आसली आनी आपूण तर ताच्या मता प्रमाण वागूंक शकना. मागीर ताणें तरी आपल्या मता प्रमाण कित्याक वागचें न्हय? हे विचार निर्मलाच्या मनांत घोळटाले.

निर्मल चिंततालें, एका हातान केन्नाच टाळी वाजना. ह्या प्रकरणांत आपलो घोव जितलो दोशी आसा, तितलेंच गुन्यांवकारी ताचें मोगीय आसा. आपलो घोव जबरदस्तीन कोणाच्या फाटल्यान गेल्लो जाल्यार

ताका जाग्यार हाडपाचो प्रयत्न करूं येताले.

भास्कर बेबदो नासलो. झगड्यांकार नासलो. आपले बायलेक गरजे भायर दुखयता तसलो नासलो तो. आपल्या संवसाराकडेन दुर्लक्ष करिनासलो तो. उशीर जावं मागीर, घर म्हूण घराक येतालो. अशें आसतना निर्मलान आपल्या घोवाचो दुबाव कित्याक म्हूण घेवंचो?

हांगा निर्मल चुकनासलें. चुकतालो तो भास्कर. तो चुकलो जाल्यार तें बाबडें कितें करतलें? हेर बायलो दिसरात झगडटात, तशें तेंय झगडटलें?

निर्मलाचें मन ताका सांगतालें, 'तुका ह्या घरांत हाडलां. ह्या घराचो सर्ग करपाक. नाका थंय नाक खुपसून सर्गाचो नरक करूंक न्हय. तूं ह्या घराची लक्ष्मी. घरांचें रक्षण करपाची जापसालदारकी तुजी. घोवाक आनी कुटुंबाच्या वांगड्यांक दुखयनासतना घर सांबाळपाचें कर्तव्य तुजें.

आयज तुजो घोव तुका फाट करून इश्टिणीं वांगडा भोंवता. केन्ना लेगीत भोंवतलो? एक दीस थकतलो आनी तुज्याच आसऱ्याक येतलो. तोय बी तुवें तो आसरो शाबूत दवरलो तर! तुजो घोव गांवार भोंवता म्हूण ताच्या रागान, तूंय घर सोडून हेडूंक लागलें तर दोगांय वाऱ्यार पडटलीं. तेन्ना नदरे आड मसण पाड म्हूण तें ओगी बसतालें.

निर्मलाक दिसलें, शीला गोंदळ्ळां. आपलें मन ताच्या मुखार मेकळें करचें. ते खातीर भरभर करून उपेग ना. शीला शाणें आसा. प्रतिभावान आसा. सारांशरूपान आपलें मन मेकळें केल्यार ताका तें समजूक आडखळ येवचीना.

निर्मलान आपलें मन मेकळें केलें. शीलाक निर्मलाचे विचार समजले. पूण ताका ते पचले नांत. ताकाय कारण आशिल्लें. शीलाची आवय विदुशी आनी निर्मलाची अल्पशिक्षीत. दोगांयनी आपल्या धुवांचेर केल्ल्या संस्कारांत भेद आशिल्लो. निर्मलाची आवय देव-धर्माक चड म्हत्व दिवपी. शीलाची आवय देव-धर्माक तितले पुरतीच मानताली. पूण पतीक देव मानून, जल्मान जल्म आपल्याक तोच घोव मेळचो म्हूण

वडा पुनवेक वडापूजा करप्यांतली बायल नाशिल्ली ती. आपलो बुरसो घोव आपल्याक जाय तसो वागलो तरी तोंड धांपून, दोळे मिटून गप्प बसपाची बायल नाशिल्ली शीलाची आवय. अर्थांत गजेंद्राकडे संघर्श करून जगचेली पाळी आयलीना तरी दुर्ग्यान घोव-बायलेमदें समानतायेचें वातावरण निर्माण केल्लें. ह्या वातावरणांतल्यान वाडिल्ल्या शीलाक निर्मलाचे विचार पटपा सारके नाशिल्ले. आधुनिक जगांत, घोव-बायलांमदें ल्हान-व्हडाची भावना आसूंक फावना अशें शीलाचें मत आशिल्लें.

हाच्या उरफाटें निर्मलाक दिसतालें, कुटुंबांतल्यो बायलो सोशीक आसल्यारूच तें कुटुंब थाऱ्यार उरता. ना तर तें मसंडीच्या थरार पावता. निर्मलाच्या मनांत कितें आसा तें आतां शीलान समजून घेतलें. ताका आपणें समजावपाचो कितलोय यत्न केलो तरी उमथ्या कळशार उदक थारतलें हाची खात्री आता शीलाक पटली. आता जालें तें जालें, ह्या फुडें तरी मामा-मामीचे भागनडींत पडपाचें ना अशें शीलान थारायलें. इतलेंच न्हय मामा-मामीचेर तें बेजारलें. ताणें तांची संगत सोडपाचो निश्चेव केलो.

:३३:

मनीस संवेदनशील आसत जाल्यार ताच्या जिवितांत केन्ना कशें मोड येत हें कोणाच्यान सांगूं येना. मनशाच्या पांयांकडे सुखां पातळून दवरलीं तरी तो आपल्या जिवितांत निमणे मेरेन सुखी आसतलो हें कोणाच्यान सांगू येता? ल्हानपणांत सावन ताचो व्यक्तिविकास घडून येतलो जाल्यार ताच्या घराब्यांतलीं आनी सरभोंवतणचीं मनशां सुशील, सुवर्तनी आनी बरे देखीचीं आसप हें चड गरजेचें आसता. दुडवांनी मनीस घडना. तो घडटा सुसंस्कारांनीं. दुडू हें एक शक्तीशाली हत्यार आसू येता. हें हत्यार धारदार चाकू प्रमाण आसता. मनीस धारदार चाकूचो उपेग फळां कापूंक करूंक शकता आनी मनशाची गोमटी कापपाचेंय

काम करूंक शकता. दुडू उज्याचेंय काम करता. उजो उजवाड घालता, अन्न भाजता-शिजयता आनी तो मनशाचीं घरांय पेटयता.

मनशांकडे गिरेस्तकाय आसची. पूण ती बरे तकलेच्या आनी बऱ्या विचारांच्या मनशांच्या हातांत आसची. माकडा हातांत कोलीत दिलें आनी ताका मेकळो सोडलो जाल्यार कितें घडटलें हाचो विचार शाण्या मनशांनी केल्लो बरो!

नायक घराण्यांत काशीबायन प्रवेश केलो आनी घरांतली सुख-शांती भुर्रर करून उडून गेली ती हो वेळ मेरेन परत येवंक नाशिल्ली.

आतां काशीबाय हातरूणार पडून आशिल्ली. दुसऱ्यान हाताक धरून उठोवचें पडटालें तिका. हात-पांय काम दी नाशिल्ले. तरी मेंदवाची कार्यक्षमता इल्लीय मंद जावंक नाशिल्ली तिची. शीला म्हऱ्यांत ना म्हूण कितें जालें? येतलें केन्नाय तरी. तें आयलें म्हणटकीर आपूण जितीं आसतनाच कुलीन घराण्याचो बरोसो भुरगो सोदून शीलाचें लग्न करतलीं. पुतागेर जालो ना म्हूण कितें जालें? ताचे धुवेगेर जातलोच चलो. त्या चल्याक आपूण कायद्यान पोसको घेतलीं. मागीर आपूण दोळे मिटूंक मेकळी! दोळे मिटले उपरांत सर्गाचीं दारां थंय पावचे आदींच आपल्याक उकतीं जातलीं, अशी खात्री त्या भावार्थी जिवाक जाली.

पुण नुस्तें दर्यांत आशिल्लें, आनी काशीबाय घरा बसून हुमणाक आळेण वाट्टाली. शीलाच्या मनाचो विचार तिका आयज लेगीत करीन-सो दिसलो ना.

शीला बाबडें मात वेगळोच विचार करतालें. वेगळो म्हळ्यार कसलो विचार करतालें तें? आपल्या लग्नाचो? लग्नाचीं सपनां पळोवपाची ताची पिराय केन्नाच सुरू जाल्ली. कळी फुलूंक लागून पांच-स वर्सां पासार जाल्लीं. ताच्या लग्नाच्या विचारांनीं दुर्ग्याचें मन सकल-वयर जातालें. कितलेंय जालें तरी तें आवय आशिल्ली ताची. तिका धुवेच्या लग्नाची काळजी आसचीना तर आनी कोणाक आसतली?

शीला मात आपल्या लग्नाविशीं पक्कें नाशिल्लें. हाचें कारण

दादल्यांविशींचो ताचो अणभव वायट आशिल्लो. सिस्टर प्रिस्काच्या आवय-बापायचो इतिहास ताच्या मनांत घोळटालो. धीरूचें चित्र ताच्या दोळ्यां सामकाराक नाचतालें. हे सगळे दादलेमनीस शूद्र वृत्तीचे आशिल्ले. आनी ताचो मामा भास्कर? तो तर गुरूपूत. बऱ्या संस्कारांनीं-बरे देखीन वाडिल्लो. बामण कुळांत जल्म घेतिल्लो. तो आपले धर्मपत्नीचो विश्वासघात करतलो, अशें शीलान केन्नाच चिंतूंक नाशिल्लें.

शीलाच्या मनांत विचार आयलो- आपल्या दुर्दैवान आपल्याय नशिबांत असलें बायजण आयलें जाल्यार? असल्या बायजणा सांगातान संवसार करचे परस आंकवार राविल्लें बरें, असले विचार शीलाच्या मनांत घोळूंक लागले.

आनीक एक गजाल ताका आशेचीं किरणां दाखयताली. प्रथमेशाक तें अजून विसरूंक नासलें. प्रथमेशान जरी ताका न्हयकारलें, तरी प्रयत्न करून ताचें मन वळोवपाक कसली हरकत आसा? तो तयार जालो जाल्यार बरेंच जालें. ना तर सुखाचो जीव दुखांत घालचे परस जल्मभर आंकवार राविल्लें कितें वायट?

मनशाक मन आसता म्हूण ताका मनीस म्हणटात. तशें पळोवंक गेल्यार मनां मोनजातीकूय आसतात. हेर सजीव प्राण्यांकूय तीं आसतात. झाडां-पेडांकूय तीं आसूंक जाय अशें दिसून येता. तरी मनशांक जितली विचार करपाची शकत आनी ताकत देवान दिल्या, तितली हेर प्राण्यांक दिवंक ना. हेर प्राणी सोताचोच विचार करतात. सुण्यां-मांजरांचीच देख घेतल्यार अशें दिसून येता की भूक लागतकच, वाडून दवरिल्ल्या जेवणाचेर तीं फाटलो-फुडलो विचार करिनासतना तुटून पडटात. तशीं करतना तीं सोताच्या भाव-भयणांचो आनी आवय-बापायचो लेगीत विचार करिनात. एक मनीसजातूच अशी आसा, जी आपल्या सुखा वांगडाच हेरांचोय विचार करता. सगळ्यांनी वाटून खावचें अशें दिसता तें फकत मनशाकूच. ताकाच लागून जेवतां-खातासतना मनशांची नदर

हेरांच्या पानांचेरूय मुजरत वता. हाका म्हणटात मनीस धर्म!

शीला फुडलें शिक्षण घेवंक मामागेर आयिल्लें. कित्याक तर आज्जेची कटकट नाकाशिल्ली ताका. पूण एक वेळ आजी परवडली, पूण हो बदफैली मामा न्हय अशें दिसूंक लागलें आता शीलाक. असल्या हलकट मामा संगतीन दीस काडचे परस, घरा परत गेल्यार चड बरें अशें शीलाचें मन ताका सांगूंक लागलें. पूण ताणें चिंतलें, मदींच घरा गेल्यार लोक बेठोच दुबाव घेतले. कोणाकूय दिसतलें, मामाली गरीबकाय शीलाक पचनासतली. ना तर मामा-मामीलें आनी शीलालें कितेंय तरी बिनसलां जावंये! कितेंय जावं, शीलाक लोकांक तोंड करून दिवंक नाकाशिल्लें. ताका लागून ताणें आपल्या मामाचें अप्रिय तोंड पळयत, मामीच्या सांगातान, शिक्षणीक वर्स पुराय जाय मेरेन थंयच रावपाचें थारायलें.

शीलान आपलो बेत बदल्लो खरो, पूण तें आपले मामीक काळखांत दवरूंक शकनासलें. निर्मलूय ताच्या मनाचो थाव घेवंक एक सारकें धडपडटालें.

आतां तर घडिल्ल्या प्रसंगान निर्मलाचें मन चडूच खंती जाल्लें. मामाकडे येदो व्हडलो वाद घाल्या उपरांत, शीला मामाल्या घरांत चड वेळ कशेंच तिगचें ना, हाची कल्पना निर्मलाक आशिल्लीच. मानी शीलाचें मन कशेय तरेन वळोवन ताका थांबोवन दवरपाचें येवजितासतनाच, शीलान आपूण जावन तो विशय मामी मुखार काडलो –

"मामी, तुका कितें सांगन-शें दिसता गे म्हाका."

"सांग मगो! ताकाक येवन गाडगो कित्याक लिपयता?" निर्मलान खिणांत कान फांकारले.

"इतलें सगळें घडलां आसतना हांवें ह्या घरांत रावचेंशें दिसता गे तुका?" शीलान एकाच झटक्यान मान वयर काडली आनी तें निर्मलाचे जापेची वाट पळेत रावलें.

“अशें टक लावन कितें पळयता म्हजेकडें? हांव जाणांच आशिल्लें, तूं अशें कितेंय तरी विचारतलें म्हूण. तूं तुज्या मामाकडें झगडलें, तेन्ना सावन तोय तुज्या तोंडार नदर घालूंक दचकता. चोराच्या मनांत चान्यांचो दुबाव आसता म्हणटात तें फट न्हय. मामा-भाच्चेची तोंडातोंडी जाली तेन्नाच म्हाका दिशिल्लें, आमचें मानी शीला तेन्नाच बिडकी कवळटलें. पूण तुवें तशें केलें ना. कारण तुजे आवयन तुजेर केल्ले संस्कार आड आयले. उच्च कुळाचीं लक्षणां तीं. अभिमान दिसता म्हाका तुजो आनी तुजे ते सुसंस्कृत आवयचो.”

भरभरीत उलोवन निर्मलान आपलें कुपेल्लें मन धुवन काडलें.

शीलान सगळें मोन्यांनीं आयकून घेतलें. उपरांत बरोच वेळ ताणें घराभायल्या विशाळ रुखाचेर आपली नदर थिरायली आनी मात्सो फुगडो करून भितरले भितर पुटपुटलें, ‘वतलें हांव. आयलांच न्हय, परिक्षा जावं दी. आतांय म्हजें मन हांगा कित्यारूच लागना. कशें जातलें म्हजें शिकप देवाक खबर! अशें दिसता, की आयलां तशें फाटल्या पांयांनी परत वचचें. पूण कितें करूं? रागा भारार परतें गेल्यार, भविश्यांत कितें वाडून दवरलां, हाची कल्पना आसा म्हाका. तें निस्तरतां-निस्तरतां सगळ्यांकूच त्रास जातले. तुकांय खर धग लागतलो ताचो. हें सगळें टाळपाक एकूच उपाय आसा आनी तो म्हणल्यार अकरावेची परिक्षा सोंपऽ म्हणसर हांगाच कशेय भशेन दीस काडप.’

एके अणभवी अस्तुरे भशेन शीला सहज उलोवन गेलें.

“कळटा गो शीला तुज्या मनांतलें दुख्ख! पूण असले वेळार तुवें तुज्या मामाक माफ करचें अशें दिसता म्हाका. सगळ्यांक खबर आसा की तूं हांगा शिकपा खातीर आयलां. हांगा कितें घडलां तें कोणाक खबर आसा? अकस्मात घरा वचून तूं तुजे आवय-बापायक कितें सांगतलें?”

“ही एक! सांगलें न्हय गे तुका हांवें एक वर्स कशेंय करून काडटां म्हूण हांगा!”शीलान ना कळटां मात्सो आवाज चडयलो.

“तशें करूं नाका. बारावी जावं दी. मागीर वच.” निर्मलान आपलें

मन उक्तायलें.

"ना मामी. म्हाका तें जमत-शें दिसना. एकदां हांगा येवन फसलें हांव. म्हाका दिसतालें हें म्हज्या आज्यालें घर. एके रुशीली मठी. हे मठयेर लक्ष्मीचें राज्य चल्लेंना म्हूण कितें जालें, सरस्पत नंदता हांगा. मामा-मामीची माया आसा. सरस्पतीचे कृपेन आनी म्हज्या रुशीतुल्य आज्याच्या आशिर्वादान, हांव म्हजें शिक्षण आडखळविरयत पुराय करतलें अशें येवजून आयिल्लें. मामाल्या घराक थिरायेची बसका मानून हांसत-खेळत रावतलें म्हूण आयिल्लें, पूण ती बसका इतकी फोफसी आनी दळडिरी आसतली हें सपनांत लेगीत केन्ना चिंतलेंना हांवें. लज दिसता म्हाका ह्या दादल्याक म्हजे आवयचो भाव म्हणूंक!"

शीला फणफणलें. निर्मलान चिंतलें, शीलाचो फणफणो कारणा भायलो ना. निर्मलाच्या मनांत हेंय आयलें, की शीलाचो जितलो राग आपल्या मामाचेर आसा, ते परस चड तो पुराय पुरूशजातीचेर आसा. एकाद्र्या दादल्याचें नांव कोणें ताच्या मुखार काडल्यारच तें खिणांत पिंजळटा. तिरस्कार करता तें पुरूशजातीचो. निर्मलान चिंतलें, दादल्यांचो राग असोच शीलाच्या मनांत घर करून रावलो जाल्यार फुडाराक तो ताका म्हारग पडूं येता. तेन्ना शीलाच्या मनांतलो, दादल्यांविशींचो गैरसमज पयस करपाची गरज आसा अशें निर्मलाच्या लक्षांत आयलें.

"शीला तुजो मामा चुकला हें कळटा गो म्हाका. पूण आड वाटेन वतल्याक निटायेर हाडपाचें काम कोणाचें? बऱ्या मनशांचें मगो? कसोय आसलो जाल्यार तो आमचोच मनीस मगो? ताची चूक सुदारपाची संद ताका आमी दिवंक नाका?"

"मामी, म्हज्या मत्तान चूक वेगळी आनी गुन्यांव वेगळो. मामान गुन्यांव केला. तो तुजोच न्हय, आख्ख्या कुटुंबाचो गुन्यांवकारी आसा. तरी तो आपलो गुन्यांव मानूंक तयार जाल्लो जाल्यार एक वेळ समजूं येतालें. ताका उक्ताडार हाडलो तेन्ना ताणें मोनाची संगत सोडूंक जाय आसली. ताणें केल्ल्या गुन्यांवांची माफी मागूंक जाय आसली तुजेकडें.

ताका तशें करचेंशें दिसलें ना. वेल्यान साव जावन उजळ माथ्यान घरभर कसो भोंवता पळयता मगे तूं? निर्लज्जपणाकूय सीम आसता गे मामी! आनी म्हाका तुजी मजा दिसता. इतलें सगळें घडुनूय तूं ताचें समर्थन कशें करता गे?''

शीला निर्मलाकडेन एके अणभवी अस्तुरेवरी उलयतालें. कॉलेजांत शिकपी भुरगें तें. तरी संवसारीक उतरां ताच्या तोंडांतल्यान भायर पडटात तें पळोवन कोणाकूय अजाप दिसूंक फाव. पूण कांय मनशांची ताकतूच अशी आसता, की भुरगेपणांतूच तीं खूब कितें उलोवन वतात. शीलाय हातुंतलेंच एक आशिल्लें. काशीबायचे संगतीचो परिणाम आसूंये तो घडये!

''हांव कोणाचें समर्थन-बिमर्थन करिना आं! बेटेंच बगलांट घालूं नाका तूं म्हजेर. तुजो मामा गुन्यांवकारी आसा, हें आदींच मान्य केलां हांवें आनी खंयच्याच गुन्यांवकाराची फाटराखण करपी बायल न्हय बाये हांव!''

अशें म्हणून निर्मल थोडो वेळ थांबलें. ताणें सरभोंवतणीं हांगा-थंय नदर भोंवडायली. तें आतां थोडें अंतर्मूख जाल्लें. ताका दिसलें, आपूण शीलाकडे उलयतना डळमळूं बी ना मू! कारण शीला कसलो प्राणी आसा, हें तें बरेभशेन जाणां आसलें. ताणें आपल्या उतरांची खात्री करून घेतली. खात्री कसली? मनसमजावणी आसली ती. एकदां तोंडांतल्यान भायर पडिल्लें उतर भितर घेवंक जायना, हाची जाणविकाय दोगांकूय आशिल्ली. ह्या फुडें घोवाची कड घेवप आपल्याक म्हारग पडटलें, हे जाणविकायेन निर्मल फुडें उलयलें - ''तुजो मामा रोगेला. ताचो रोग खंयचोच दोतोर बरो करूंक शकचो ना. म्हजीय मात्रा ताका सट्ट करून लागू पडची ना. ताका इल्लो कळाव लागतलो. पूण हे घडयेक हांवें कितें करपाचें तें तूंच सांग. आनी कोणूय तिखसाणीची बायल आशिल्ली जाल्यार म्हणटली आसली, ''तूं गांवभर शेण खावन म्हजे म्हऱ्यांत येवं नाका. इतल्यारूच थांबची नासली. आदळआपट करून सगळें घर माथ्यार

घेतली आसली. तुका कितें दिसता, हांवेंय तशेंच करपाचें?'' निर्मलान उबगून प्रस्न केलो.

''हय, तसल्यांक तशेंच करपाचें. तुजे घोवान केलां तशें तुवें केल्लें जाल्यार तो तुका ओगी रावपाचो?'' शीलाचे दोळे आपशींच रागान मोटे जाले.

''देवाक खबर! जणेकल्यान आपापलो धर्म पाळपाचो! निर्लज्जम् सदा सुखी, म्हणटात तें फट न्हय. निर्लज्जांक कितेंय चलता.''

''चलता न्हय, तुमचे असलीं बायलांच तें चलोवन घेतात.'' शीला भितरले भितर फणफणलें.

निर्मलाक दिसलें, शीला आपल्या मूळ पदार आयलां. ताका शांत करून, दादल्यांविशींचो ताचो गैरसमज पयस करपाची संद आयतीच चलून आयल्या. तिचो उपेग करून घेवंकूच जाय.

निर्मल आता शांत चित्तान शीलाकडे पळेत रावलें, अशे तरेन की, तें आता शीलाच्या प्रस्नाची जाप दिवंक असमर्थ आसा. उपरांत शांत चेऱ्यार मंद स्मित हाडून तें उलयलें– ''तुका दिसता तशें नासता गो बाय! दादल्यांचे बाबतींत तुजें मन अजुनूय डळमळीत जाल्लें दिसता. तें जेन्ना थीर जातलें, तेन्ना तुजो दादल्यां वयलो राग इल्लो इल्लो निवळटलो. मन थीर जातकूच तुजी चूक तुका कळटली. आयज तुका तुज्या दोळ्यां मुखार बदफैली, बेबदे, अन्नाडी, पाडे बुध्दीचे, मदांध, गूंड आपल्या बायलां–भुरग्यांक खोंटायतात आनी गांवार पारपोळपणा करून घराचो आदार घेतात, तसलेच दादले बोवाळटात. तुका धीरू आनी ताचे वांगडी गूंड दिसतात. तुजो मामा दिसता. पूण दयावंत राणू गुरूजी आनी मायेस्त आजो–आवयचो बापूय–दिसना. तुजे आवयचो आनी तुजोय असीम मोग करपी तुज्या बापायक तूं विसरता. हे सगळे दादलेच मगो?

तेंच कित्याक तुज्या सुशिक्षीत आनी सुसंस्कारीत मनांत म्हाभारतांतल्यो आनी रामायणांतल्यो सोंसीक आनी पतिव्रता सीता–सावित्री, अहिल्या, द्रौपदी बी भरल्यात आसतल्यो. पूण राजा दशरथपत्नी

कैकेयी आनी तिची दासी-मंथराकडे तूं दुर्लक्ष करता. ह्या बायलांनीं रामाचो आनी ताच्या राजघराण्याचो इल्लो छळ केलो ना. इतलेंच न्हय, तर कितल्याशाच राजघराण्यांतल्या बायलांनी सत्ता मेळोवपा खातीर राजपुरूशांची वाट लायल्या, हाची गवाय इतिहास दिता. पूण तूं तें लक्षांत घेना.

तुका तुजी मायेस्त आवय दिसता. मामी दिसता. तांचें दुख्ख तुका कळटा. पूण आपल्या घोवाची आनी पुताची दैना करपी तुजी आजी-काशीबाय-तूं विसरता.

इतलेंच कित्याक, शकुंतलेचे भोगणार करपी दुशंतराजाचो आसपाव तूं पाड्या दादल्यांत करतलें. पूण तेच शकुंतलेचो सांबाळ करून, तिका बापायची माया दिवपी कण्वरुशीक तूं विसरता. तशें नाशिल्लें जाल्यार तूं दादल्यांक दुशेणां केन्नाच दिवचें नाशिल्लें.

तूं एक गजाल लक्षांत दवर शीला. ह्या जगांत दुश्ट प्रवृत्तीन भरिल्ले जशे दादले आसात, तशो बायलोय आसात. आमचें झूंज आसूं जाय तें फक्त दुश्ट प्रवृत्ती आड. ते मागीर दादले आसूं ना तर बायलो. म्हणून हांव म्हणटां, तूं हे फुडें फकत दादल्यांक दुशणां दिवपाचें सोडून दी.

तुज्या मामान हलकटपणा केल्यांत, हें हांव मानतां. पूण मोनाचें कितें? एक बायल दुसरे बायलेचो संवसार इबाडूंक फुडें सरता, ही करणी खंयच्या न्यायांत बसता गो?''

निर्मल शीला आड उलयतालें खरें, पूण शीलाक तें आयकन-आयकन शें दिसतालें. कारण ताच्या उलोवपांत सताचो आस्पाव आशिल्लो. अणभवाच्या उतरांनी परिपूर्ण आशिल्लें तें उलोवप. शीलान प्रतिवाद करी सारकें कांयच नाशिल्लें निर्मलाच्या उलोवपांत. शीलाक दिसलें, निर्मलाच्या अणभवा मुखार आपलें पुस्तकी गिन्यान फिकें पडटा.

आपल्या उतरांनीं शीला प्रभावीत जालां तें पळोवन निर्मलाक इल्लो चेव चडलो. ताणें आपलें उलोवप फुडें चालूच दवरलें-

"तुजी चूक ना गो शीला. आयज बऱ्या विचारांक मोल उरूंक



ना. लोकशायेच्या नांवान आयज सगळेकडे बोबमारी चल्ल्या. चार बायलां एकठांय आयलीं, तातुंतली एक माचयेर चडली आनी लागली आड्डेवंक. मागीर घे! टाळयांचो कडकड. ह्यो टाळयो-उलप बरें, अर्थाळ आनी समाजाच्या आनी देशाच्या फायद्याचें जालें म्हण न्हय, तर एक बायल माचयेर चडून दादल्यां आड मोट्यान आनी नेटान उलयली म्हूण! माचयेर उबी रावन दादल्यांचीं कुतां आनी उणी-दुणी काडलीं म्हूण टाळयो पेटल्यो आयकुप्यांनीं.

बायलांनी समाजकार्या खातीर फुडें येवंकूच जाय. आपल्या आंगांतल्या गुणांचें दर्शन समाजाक घडोवंकूच जाय. पूण तशें करतना लोकांकडल्यान आपलें हांशें करून घेवंक फावना. आपल्या कुटुंबाचें नांव वयर सरता तसलें फुडारपण जावंक जाय. आयकुप्यांच्या तोंडांतल्यान उतरां भायर पडूंक जाय की ही अमक्याली धूव, अमक्याची बायल तर अमक्याची सून. गर्वान हड्डें फुलूंक जाय कुटुंबांतल्या जणेका वांगड्यांचें!

आयज विचारवंत आनी समाजाविशीं-देशाविशीं तळमळे आशिल्ल्यो अस्तुऱ्यो उण्यो नांत. पूण त्यो फुडें येनांत. त्यो फुडें येवंक जाय. 'हो देश फकत दादल्यांचो न्हय' अशें तूं म्हणटा तें सामकें खरें. पूण तो फकत बायलांचोय जावंक फावना. दादल्यां-बायलांनी हातांत हात घालून ह्या देशाची आनी आपापल्या समाजाची उदरगत घडोवन हाडपाची आयज गरज आसा.

चड करून आयज अर्दशिक्षीत बायलो इंग्रजाळल्यात. तांकां पाश्च्यात्यांचें सगळेंच बरें दिसूंक लागलां. असल्योच बायलो ऊठ सूट हो समाज पुरूश प्रधान म्हूण तालसुरांत एक सारक्यो आड्डेत आसात. पूण बारकायेन पळोवंक गेल्यार, खंयच्याय समाजाचेर दादल्यां परस बायलांची सत्ता चड चलता. चडशे दादले बायलांचे आज्ञाधारक जावन वावुरतात. कांय बायलांक तेंच जाय आसता. आपलो घोव आपले मुठींत आसा, हें दाखोवन दिवपाक तांकां धन्यताय दिसता. दादले तोंड धांपून ओगी रावतात. कारण तांकां शेणाचेर फातर मारून तें आंगार उसळोवन

घेवपाचें नासता. बायलांचे बाबतींतूय केन्ना-केन्ना अशेंच घडटा.

म्हत्वाची गजाल अशी, की बायलमनीस समजिकायेची आनी सुसंस्कृत आसली तर घोव-बायलेच्या संवसारांत तंटे उप्रासनांत. पूण सगळ्योच बायलो एक सारक्यो आसनांत. थोड्यांकडे दुकांचो सांठो आसता तर थोड्यांकडे गरजे भायर बोब मारपाची शकत आसता. ह्या दोन साधनांचो उपेग करून, चडशो बायलो आपल्या घोवांकडसून आपल्याक जाय तें बळजबरेन करून घेतात. असले वेळार कांय दादले खर रावतात तर कांय जण दुकां गळयनासतना मोन्यांनी सगळें सोंसतात. कांय जण ऊठसूठ आड्डेवन, बायलांक जाय तेंच करून मेकळे जातात. कांयच्या बाबतींत आडवाद सोडलो जाल्यार दादल्यांच्यो ह्यो आड्ड्यो आनी तापोवण्योच तांकां बदनाम करतात. ह्या आड्ड्यांक लागुनूच बायलां आपलो गैरसमज करून घेतात की हो समाज पुरूशप्रधान जावन आसा.

खरें म्हणल्यार हो संवसार चलता तो बायलांच्या मुखेलपणा खालाच. बायलोच कळटां न कळटां दादल्यांक आपल्या तालार नाचयतात आनी तांकां नियंत्रणांखाला हाडटात.''

शीलान आपले मामीलो शेरमांव मोन्यांनी आयकून घेतलो. हो शेरमांव पाद्रीलो नासलो, तो आसलो एके अस्तुरेन दुसरे अस्तुरेचें दुख्ख पयस करपाक, तिचो गैरसमज पयस करपाक केल्लो. एक बायलमनीस आसुनूय, कसलोच आडपड्डो धरिनासतना उक्तेपणान उलयल्लें निर्मल. शीलाक तातूंत खोडून काडी सारकें कांयच दिसलें ना. निर्मलाच्या उलोवण्यान शीलाच्या मनांतलीं, दादल्यांविशींचीं कडवटपणां मात इल्लीं उणी जालीं. तरी आपल्या मामाक मात तें माफ करूंक शकलें ना.

भास्कर मोनाचेर मना पासून मोग करतालो काय कितें, तें कळूंक इल्लें कठीणूच आशिल्लें. पूण मोनाचो भास्करावेलो मोग मात उखलापो आशिल्लो. धूर्त मोनाक खबर आशिल्ली की भास्कराक लग्नाची बायल आसा. पूण ती आपल्या इतली स्मार्ट ना. ताका ती अरवळ दिसता;

म्हूण तो आपल्या सांगाताक येता. असले दादले थीर आसनात. होय तातुंतलोच. आपल्या वांगडा दोन दीस नाचतलो. मागीर ताका उबगण येतली. शेणिल्लें गोरूं करमळेच्या तळ्यार म्हणटात तशें भास्करूय एक दीस आपले बायलेचे वेंगेंत लिपतलो.

आनी जालेंय तशेंच. भास्कराले दोळे आतां इल्ले-इल्ले उक्ते जायत गेले. ताका दिसलें, मोनाची संगत आपल्याक खूब म्हारग पडटली. ताकाच लागून शीला आपल्या पसून पयस गेलें. निर्मलूय खूब दुखवलें. ह्या फुडें मोनाचो सांगात सोडलो ना जाल्यार आपली धडगत ना, अशें ताचें मन ताका सांगूंक लागलें.

आपलें प्रेमप्रकरण शीलाक कळ्ळें. शीलाकडल्यान तें निर्मलाच्या कानार पडलें आसूं ये. शीलाचे एके इश्टीणीकूय तें कळ्ळें. इतले मेरेन तें बरें आसा. पूण फुडें तें फांकारत गेलें जाल्यार? आवय-बापायक कळ्ळें जाल्यार? आयज ना फाल्यां भयणीच्या कानारूय पडूंक शकता. अशें घडलें जाल्यार कोणाकूच तोंड दाखोवपाची सोय उरची ना. तेन्ना ह्या खिणा सावनच मोना पसून पयस रावपाची माण्णी केल्यार बरी. मोना तितलें वायट न्हय, समजयल्यार समजतलें तें.

हें प्रकरण घडचे पयलीं, भास्कर-निर्मलाचो संवसार दिश्ट लागऽ सारको चलतालो. दिसाचें खयीं पावूं, रातीचीं चडशीं जेवणां एकठांय जातालीं. भास्कराक घरा येवंक वेळ जातालो खरो, पूण शीला आनी निर्मल ताची वाट पळेत बसतालीं. तो येतकच हास्यविनोदान जेवणां जातालीं सगळ्यांचीं.

आनी आतां? सगळीं एकठांय जातकच जणेकल्यांच्या तोंडार काळसाण फांकताली. भास्कर घरा आसल्यार शीला ताट घेवन आपले कुडींत वतालें. भास्कर आनी निर्मल जेवंक एकठांय बसतालीं खरीं, पूण तांच्यो मानो वयर सरनासल्यो.

सदांभशेन आयजूय निर्मलान तिगांलींय ताटां वाडून मेजार दवरलीं. शीला आपलें ताट घेवन आपले कुडींत वतलें, हें तें जाणां आसलें.

भास्कराची वाट पळेत तें म्हज्यांतल्या कदेलाक तेंकून उबें रावलें.

इतल्यान शीलान येवन आपलें ताट उबारलें मात, खर आवाजांत भास्करालीं उतरां येवन ताच्या कानपटार आदळ्ळीं. आपल्या मामाच्या तोंडांतल्यान भायर पडिल्लो असलो भयांकृत आवाज शीला पयलेच खेप आयकतालें. दोनूय हातांनीं ताट सांबाळीत शीला आवाजाचे दिकेन थीर नदरेन पळेत रावलें. आपल्या मामाली गर्जना आयकून शीला अजापलें. कारण तीं उतरां आस्वासक आशिल्लीं. त्या आवाजांतल्यान भास्करांतलो पुरूशार्थ व्यक्त जाल्लो.

बरोच वेळ मामा-भाच्चेच्यो नदरो एकामेकाचेर थिरावन उरल्यो. उपरांत भास्कर दुसरे खेप गरजलो - ''शीला! खंय वता ताट घेवन? बस थंय! आमच्या म्हज्यांत बसूंक लज दिसता तुका?''

शीलान परती जाप दिली ना. तें खूट कशें ताठ मानेन एकाच जाग्यार उबें रावलें. ताका आपल्या मामाच्या वर्तनांत थोडो बदल दिसून आयलो. भास्कराच्या चेऱ्यार अपराधीपणाचे भाव स्पश्टपणान दिसून आयले शीलाक.

शीला जागेवेल्यान हालना तें पळोवन भास्कर फुडें आयलो. ताणें शीलाच्या खांदार मायेन हात दवरलो आनी म्हळें-

''हांव जाणां, म्हज्या कुळाक सोबना तसलें वायट काम घडलां म्हजे कडल्यान. लज दिसता म्हजे करणेची म्हाका. हांव प्रायश्चीत घेवंक सोदतां. तुमी दोगांय म्हाका एकूच संद दियात. शिवाय, तुमी दिल्ली कसलीय ख्यास्त भोगूंक तयार आसा हांव. आनीक एक गजाल, आयज पसून मोनाचो सांगात सोडपाचो निश्चेव केला हांवें.''

हें आयकून शीला - निर्मलाच्या चेऱ्या वयलीं काळीं कुपां निवळत गेलीं.

:३४:

शीलाचें कॉलेज सोंपलें आनी ताच्या लग्नाचें वारें अकस्मात दुर्ग्याचे तकलेंत शिरलें. अकस्मात म्हणचे परस आवय-बापायच्या

कायद्यांत बसतालें म्हणूंक जाय. कारण आता ताका बावीस वर्सां पुराय जाल्लीं. त्या मानान तीं चडूच आशिल्लीं. पूण आवय-बापायक मात तीं थोडींच दिसतालीं.

सदां भशेन दुर्गें सांजवेळार फुलबागेंत भोंवपाक गेल्लें. तागेली बाग सांज-सकाळ फुलांनी भारेल्ली आसता. कांय फुलां सकाळीं फुलून सांजचीं बावतात, तर कांय सांजेचीं फुलून सकाळचीं बावतात. कितेंय जालें तरी फुलतात तीं फुलां केन्ना ना केन्ना बावतातच. अशें आसलें तरी कांय जातींचीं फुलां बागेंतच अजून टवटवीत आशिल्लीं. तांचो परमळ सरभोंवतण परमळीत करपाचें काम अजून करतालो. म्होवांचे आशेन भोंवरे फुलां भोंवतणी भोंवाडे मारताले. तांकां म्होंव मेळटालें काय कितें देवाक खबर! एक मात सत, की मेळ्ळे उपरांत ते चोखून पळ काडटाले. काम जालें वैज मेलो म्हूण फाटल्यान पळय लेगीत नाशिल्ले. ही गजाल दुर्ग्याच्या लक्षांत गेली. ताका दिसलें, शीलाच्या रुपान आपल्यागेरय एक सोबीत फूल फुल्लां. तेंय म्होंवान उपाट भरलां. एकाद्रो भोंवरो न कळटां येवन चुमून गेलो जाल्यार? उपरांत ताका बावसाण आयली जाल्यार? बावक्या फुलाक मोल नासता. एकदा पायांपोंदा गुड्डलें जाल्यार अपवित्र जालेंच म्हूण समजुपाचें. मागीर ताका देवा माथ्यार चुकून लेगीत सुवात मेळप भोव कठीण!

हे कल्पनेंतल्या प्रसंगान दुर्गें धास्तेलें. ताणें घरांत धांव मारली. शीलाचो सोद घेतलो. आयज शीलाकडे उक्तेपणान खूब उलोवंक जाय आशिल्लें ताका.

शीला वोल्तेरार बसून पुस्तक वाचपांत गुल्ल जाल्लें. दुर्गें वोल्तेरा फाटल्यान वचून अशे तरेन उबें रावलें, की तें आयिल्ल्याची जाग शीलाक येवची न्हय!

दुर्गें बरोच वेळ आपले धुवेक नियाळीत रावलें. शीला बायल जाल्ली खरें, पूण ताचें भुरगेंपण ताच्यांत अजून झळकतालें. हे वेळार तरी काळजीविरयत आशिल्लें तें आवयचे सावळेंत. ताचे केंस सुटिल्ले.

ताचें न्हेसण-स्कर्ट-अस्ताव्यस्त जाल्लें. तेय अवस्थेंत तें आतां सुंदरतायेचो पुतळो दिसूंक लागिल्लें. पूण साडयेंत आशिल्लें जाल्यार आनीकय सुंदर दिसपाचें. भारतीय अस्तुरेक सोबाय हाडटा ती साडीच. मोटाय नियंत्रणांत हाडपाचें काम फक्त साडीच करता.

दुर्गे आतां आवाज करिनासतना फाटल्या पावलांनी दाराकडें गेलें. पिट्ट करून लायटी बटन दामलो. कांय वेळान लक्क करून ट्युबलायट पेटली. शीला दचकलें.

''आगो बाय, काळखांत बसून कितें करतालें गो तूं हांगा?'' दुर्गान शीलाच्या केंसार हात भोंवडायत म्हणलें.

''वाचतां न्हय गे माँ हांव!'' शीला हातांतलें पुस्तक मेजार दवरीत उबें रावलें.

''इतले काळखांत वाचीत जाल्यार दोळे इबाडचेना गो तुजे?'' कुशीच्या कदेलार बसतां-बसतां दुर्गान काळजी उक्तायली.

''कांय इबाडनात गे, संवय आसा म्हाका. मामागेर चडशी लायट वतालीच. थंय वाचिनाशिल्लें तर हांव मंद उजवाडांत?''

अशें म्हणत शीला जनेलाकडें तकली भायर घालून उबें रावलें.

''आनी आतां स्कर्ट-बिर्ट घालपाचें बंद कर बाये. ल्हान ना तूं आतां.''

''ही एक! खंयचेय वेळार कित्याचेरय पावता. आता स्कर्टाचेर कित्याक पावली तूं?'' मुमुरकें हांसत शीलान परत एकदां भायले रुखावळींचेर नदर मारली.

''कित्याक पावली म्हणचे? घोवागेर गेलें म्हणटकच स्कर्टानूच भोंवतलें? लोक म्हाका दुशणां दितलो, कसली रीत शिकयल्या काय म्हूण.'' दुर्गान चिंता उक्तायली.

''केन्ना कितें न्हेसूंक जाय तें हांव जाणां. ओगीच शिताफुडें मीठ खांव नाका.'' शीला केंसांगांठ मारीत आवयकानांकडे वचून फुतफुतलें.

''बरें बरें! नसतीं शाणेपणां सांगूं नाका म्हाका. आतां थोड्या

दिसांनी संवसारपाडवो येवपाचो आसा. दूजभर साडयो हाडून दवरतां तुजेच खातीर. न्हेसून पांय पड सगळ्यांक. सुरवात जावं दी ते दिसा सावन.''

दुर्गे आपल्या मनांत येता तशें बडबडलें. ताची बडबड शीलाक सोंसना जाली. ताका दिसलें आपली आवय लग्नाचो विशय ताणून धरूंक सोदता. सद्यातरी ह्या विशयाक गत मेळची न्हय म्हूण शीलान थंयच्यान हळूच कूस मारली.

दुर्ग्याच्या लक्षांत आयलें की शीला लग्नाचो विशय टाळूंक सोदता. पूण विरोध करिना-तेन्ना हेच नेटार ताणें धुवेच्या लग्नाचो विशय आपल्या घोवाकडें काडपाचें थारायलें. शुभश्च शीघ्रम म्हणून तें आतां घोवाचे वाटेकडें दोळे लावन बसलें.

आता आमोरी जावंक आयिल्ली. शारांतले सगळे दिवे लकलकूं लागिल्ले. झाडांवेल्या कावळ्यांची कांवकांव बंद जाल्ली. हो परिसर शाराचोच एक वांटो आसलो तरी हांगा थंय व्हडल्या रुखांचो आसपाव आशिल्लोच. ताका लागून सूर्या अस्तमेक केन्ना गेलो तें कळनासलें. तरी भारतीय संस्कृतायेंत वाडिल्ल्या हिन्दू बायलांक दिवेलावणेचो वेळ समजताच.

दुर्ग्यान मान्यांत वचून हातपांयार उदक घेतलें. माथ्यार पदर घेतलो. पडग्यांत गंद-फूल आनी पणटी घेवन तें तुळशीकडें गेलें. मंदमंद पावलांनीं तुळशीक प्रदक्षिणां घाल्यो. पेटिल्ली पणटी तुळशीपेडार दवरून, पडगो घेवन तें देवाकुडींत गेलें.

इतल्यान दरवंट्या भायल्यान गजेंद्राली गाडी उबी जाली. थंय कोण नाशिल्ल्यान दुर्ग्यान स्वता वचून खिळी काडली.

गजेंद्राली एक खाशेली संवय आशिल्ली. गॅरेजींत गाडी दवरतकीर एक-दोन मिनटां तो बागेंत थांबतालो. थंय फुलांचेर तो बारकायेन नदर मारतालो. तांकां नियाळटालो, तोखेतालो, हुंगतालो. बागेंतली थंडाय आनी शांतताय ताका नवी उर्बा दिताली.

सदां भशेन ताणें आयजूय केलें. हात-पांय धुवन तो पलंगार वचून आड पडलो. बरोच वेळ घोव-बायलेन सूख-दुख्खाच्यो गजाली केल्यो. ह्या गजालींनीं तांचीं मनां ताजेलीं, उर्बेलीं!

दुर्ग्याचो चेरो तर आयज इल्लो चडूच फुलिल्लो.

"आयज तूं सदां परस चड खोशी दिसता मगो, कितें जालां? म्हाकाय सांग तरी!" गजेंद्रान चेऱ्यार हांसो पातळायत प्रस्न केलो-

"हांव सदांच खोशेन भरिल्लें आसतां. दुख्ख करपाक कितें उणें आसा म्हाका ह्या घरा? दीस-रात मोग करपी मायेस्त घोव मेळ्ळा म्हाका. नखेत्रा सारकी अपुरबायेची धूव. गिरेस्तकायेन तर घर भरून दार ओत्ता. आनी कितें जाय म्हाका?" दुर्ग्यान गजेंद्राच्या केसांचेर मायेन हात भोंवडायत म्हळें.

"शीला खंय गेलें? आयज सकाळपसून दिसलें ना तें म्हाका? हालीं म्हजेपसून पयस पयस रावता-शें, कितें जालां?" गजेंद्रान दुर्ग्याचो हात हातांत घेवन उत्सुकतायेन प्रस्न केलो.

"धूव मात्शी दोळ्यांकडे नासली जाल्यार काचाबूल जाता तूं. आनी फाल्यां लग्न जावन घोवागेर गेलें म्हणटकच कितें करतलो?"

"घोवागेर वचपाक वेळ आसा. ल्हान आसा तें अजून."

"ल्हान? बावीस वर्सांचें चली ल्हान दिसता तुकां? तें मधूबाबालें आशा वीस वर्सांचें, पयर ताचें लग्न जालें ना? आनी तुका तुजें बाय ल्हानूच दिसता? तें कितेंय जावं. हांव आतांच उलयलां ताचेकडें. लग्नाचो विशय काडिनाफुडें पळ काडलो ताणें. ताणें कितलेय आडेवेडे घेतले जाल्यार आमकां गप्प बसून चलचें ना." दुर्ग्यालें 'नोनस्टॉप' उलोवप चलतना गजेंद्रान मदेंच तोंड घालें-

"बरें बाये, समजलें म्हाका. मुद्याचें उलय. सांग फुडें कितें करपाचें तें." उशें मानेकडें सरकयत गजेंद्र उलयलो.

"बेगोबेग बायच्या लग्नाचे तयारेक लागपाचें."

"लग्नाचे तयारेक लागप म्हणचे जेवपाचें काम न्हय. काडली उंडी

गिळ्ळी पट्ट करून, अशें जावचें ना.'' दुर्ग्यान थंडपणान समजावपाचो यत्न केलो.

''मागीर कितें करुया सांग.''

''न्हवऱ्याच्या सोदीक लागपाचें.'' दुर्गें.

''आमच्या बायक न्हवरे सोदूंक वचपाची गरज आसा, अशें दिसता तुका?''

''दिसता तर? लग्नाची गजाल काडल्यारूच पुरो. रांक लागतली न्हवऱ्यांची. पूण तो आमच्या घराण्याक सोबता तसलो आसूंक नाका? ते भायर बऱ्या विचारांचो, बऱ्या स्वभावाचोय आसूंक जाय. भाटां-बेसां आनी धनदौलत आशिल्ले खूब मेळत, पूण आयज-काल निर्व्यसनी भुरगो मेळपाक खूब कठीण.'' दुर्ग्यान आपली चिंता उक्तायली.

''तें कोणाच्या मोगान बी पडूंना मगो, तें पयलीं सोदून काड.'' गजेंद्रान बेटोच दुबाव उक्तायलो.

''आमचें बाय तसलें न्हय आं, सांगून दवरतां.'' - दुर्गें.

''सगळ्या आवयांक तशेंच दिसता. तूं तसलें ना, अशें तुजे आवयक दिसनाशिल्लें? तुवें केलो काय ना मोग!'' गजेंद्रान आपल्या मोगाची दुर्ग्याक याद करून दिली.

''मोग करप पाप न्हय. शीलान तुज्या असल्या मनशाचो मोग केल्यार हांव आडमेळें हाडचें ना.''

''म्हजे असलो म्हणजे श्रीमंत!''

''हांवें तशें म्हणूंक ना. आनी हांव तुजेकडें लग्न जालां तें तुजी गिरेस्तकाय पळोवन न्हय. तर तुजे गूण पळोवन.'' दुर्ग्यान केल्ली तुस्त गजेंद्राक मानवली ना, ताणें म्हळें, ''हांव हाडटलों आडखळ.''

''कित्याक रे बाबा!''

''आमचे बायक बरो न्हवरो जाय म्हूण!''

''तुजे इतलोच बरो पुरो.'' - दुर्गें.

''इतली नसाय बरी न्हय.'' गजेंद्रान मस्करी केली.

"नसाय कसली? म्हाका मेळ्ळा तितलो बरो घोव म्हजे धुवेकूय मेळचो, अशें दिसता म्हाका. म्हजे दिश्टीन हे परस बरो घोव मेळप ह्या संवसारांत भोव कठीण!"

घोव-बायलेचें उलोवप बरोच वेळ चल्लें. आनीकूय उलयन उलयन दिसतालें तांकां. तांचो तो आवडिचो विशय आशिल्लो. तांणीं मनांत हाडिल्लें जाल्यार विशय फुडें वाडयनासतना लग्नाचो निर्णय घेवन तयारेक लागतलीं आसलीं. पूण तांणीं तशें केलें ना. दोगांय सुशिक्षीत आशिल्लीं तीं. आपले धुवेच्या मनाचो थाव घेवनूच फुडें वचपाचें थारायलें तांणीं.

:३५:

सुसंस्कारीत भारतीय अस्तुरी मातृपदार येतकच तिका आपल्या भुरग्यांची काळजी लागून उरता. आपलीं भुरगीं बरे देखीचीं जावंचीं, तांचो संबंद बऱ्या लोकांकडें येंवचो. तीं सक्षम जावन तांचो उपेग आपल्या समाजाक आनी राष्ट्राक जावंचो. आपल्या भुरग्यां वरवीं, आपल्या आवय-बापायचें आनी घराण्याचें नांव वयर सरचें, असलीं सपनां भारतीय सुसंस्कृत नारी पळेत आयल्या. आमची संस्कृताय आयज मेरेन हेंच दाखयता.

दुर्गेय हेच माळेंतलो एक मणी जावन आपल्या संवसारांत वावुरतालें, सुखान जियेतालें आनी आपल्या पावलार पावल दवरून आपले धुवेनूय फुडें वचचें अशें ताका दिसतालें.

ते राती दुर्ग्याक न्हीद लागली ना. शीलाच्या लग्नाचे विचार ताच्या मनांत एक सारके घोळूंक लागले. अकस्मात ताच्या लक्षांत आयलें, हक्क नासतना, ध्यानीमनी नासतना ही येदी व्हडली गिरेस्तकाय आपल्या वांट्याक आयली. पूण शीलाचे बाबतींत वेगळें घडलें जाल्यार? ताका एकाद्रया गरीब आनी तवनासान आपल्या जाळ्यांत ओडलें जाल्यार? मोगाक दोळे नासतात. कुड्ड्या मोगान जायत्या चलयांचो घात घेतला. शीलाचे बाबतींत तशें कांयच घडूंक फावना.

शिक्षकाच्या कुटुंबाक गरिबकायेचो हुलोप केन्ना ना केन्ना लागिल्लो आसताच. दुर्ग्याकूय ताचो अणभव आयला. अणभवी दुर्ग्याक बेसबरी खबर आसा, की गरिबाली धूव गिरेस्ताल्या घरांत जमोवन घेता, पूण गिरेस्ताली धूव गरिबाली सून म्हूण सोंपेपणान चड दीस तग धरूंक शकना. ताका लागून फुडलें संकश्ट टाळपा खातीर दुर्ग्यान सादूर रावपाचो निश्चेव केलो.

घरांत लग्नकार्य घडोवन हाडपाचो विचार आता दुर्ग्यान पक्को केलो. हें लग्नकार्य गजेंद्र-दुर्ग्याच्या यजमानपणा खाला जावपी पयलें आनी निमणें आसलें. ताका लागून दुर्ग्याच्या मनांत आता सपनांची राजवट सुरू जाल्ली. घोवाक विस्वासांत घेवन लग्नदबाजो आपल्याक जाय तसो घडोवन हाडूंक शकतालें दुर्गे! ताच्या मुखार कसलीच अडचण, कसलीच आडखळ आनी कसलोच उणाव म्हूण दिसनासलो. घरांत ताका मानार करपी कोण नासलो. काशीबाय ताच्या कार्यांत लुडबूड करूंक शकनासली. कारण ती मरणा घटको मेजताली. हक्क गाजोवपाक देर-नण्णोय नाशिल्ल्यो. गरजेबगर कसल्याय कामाकडे मेत्यार जावपी सोयऱ्यांधायऱ्यांय नाशिल्लीं ताचेकडे. पूण ताणें उलो मारल्यार मात, कसल्याय कामांक, खंयचेय वेळार धांवून येवपी कितलोसोच लोक आशिल्लो. दुर्गे ताचो उपेग आपल्याक जाय तेन्ना करून घेवंक शकतालें.

दुर्ग्याचो जल्म मध्यम वर्गांत जाल्लो. आनी मध्यम वर्गांतले एके चलयेचें लग्न घडोवन हाडपाक कितल्यो खस्ती काडच्यो पडटात, हाचो अणभव दुर्ग्याले गांठीक आशिल्लो. एका लग्नाक बारा विघ्ना हाडपी लोक उणो आसनात ह्या समाजांत. दुर्ग्याक हाची पुराय कल्पना आशिल्ली. जातपात, देवधर्म, गोत्रबित्र, मानपान, देवाणघेवाण, परंपरो-ह्यो सगळ्यो गजाली मुदयेर थीक बसयल्ल्या वरी ज्युस्ता ज्युस्त जावंच्यो पडटात. हें सगळें तपासून पळोवपाक आशिल्लीं-नाशिल्लीं नातींगोतीं तकल्यो वयर काडूंक लागतात. दुर्ग्यान हे सगळे भुतावळी पसून पयस रावपाचो निश्चेव केलो. इतलेंच न्हय, तर ताणें आपल्या आवय-बापायक

आनी भाव-भावजयेक लेगीत विस्वासांत ना घेवपाचें थारायलें.

दुर्गाचे विचार पक्के आशिल्ले. गिरेस्त आसलें म्हूण कितें जालें? हेर आवयांक आपल्या धुवांच्या लग्नाची काळजी आसता, तशी ताकाय आशिल्ली. पूण आपलें भांगर चोख आसा, आनी मोडावाक वचचें ना, हाचो आत्मविश्वास ताका निश्चीत आशिल्लो. भांगराशिंगराचें प्रदर्शन करून, भाटांबेसांची आस दाखोवन आपली धूव कोणाच्या गळ्याक बांदपाची वस्त न्हय, हाची दुर्गाक पुराय खात्री आशिल्ली. ह्याच बळान तें आतां निश्चींत जाल्लें.

बऱ्या कुळांतल्यो धुवो सदांच आपल्या कुळाचो विचार करतात. आपल्या कुळाचो मान राखपा खातीर, सगळ्या सुखांचो त्याग करपा खातीर कुलीन धुवोच एका पांयार तयार आसतात.

ज्या घराण्यांतल्यो धुवो आनी सुनो जेन्ना दादल्यांची नक्कल करतात, तेन्ना समाजांत अनाचार पातळटा. आनी सैम अनाचाराक सारें-उदक घालपाचें कुकर्म केन्नाच करिना. सैमाक तें मान्य नासताच. दादल्यांनी आनी बायलांनी आपापली सुवात सोडची न्हय, अशी सैमाची इत्सा आसता. ईश्वराचे इत्से आड झाडाचें पान लेगीत हालना म्हणटात तें हाकाच लागून.

शीलाक हाची कल्पना आशिल्ली. ताकाच लागून ताणें आपूण कोणाचेर मोग बी करतां म्हूण ती गजाल आपल्या आवय-बापायच्च्या कानार घाली ना. आनी कोणूय जाल्लें जाल्यार आतांचे पद्दती प्रमाण म्हणटलें आशिल्लें, की तुमी म्हज्या लग्नाचे भानगडीक पडूं नाकात, म्हजें हांव पळोवन घेन.

शीलान अशें म्हणिल्लें जाल्यार तें ताका पचतलें आशिल्लें. कारण ताचो आवय-बापूय मोग करुनूच लग्न जाल्लो. तांचें जिवीत सुखान वता, हें शीला पळेतालें. तरी शीलान आपलें मत उक्तायलें ना. कारण शीलाची आनी दुर्गाची परिस्थिती एक नाशिल्ली. दुर्गाचो आवय-बापूय गरीब आसलो तरी सजातीय आसलो. ताका लागून समाज लग्नाक

आडमेळें हाडूंक शकनासलो. घरच्यांचीय लग्नाक आडकाठी नाशिल्ली. 'मियां-बिबी राजी तो क्या करेगा काजी' असली स्थिती आशिल्ली दुर्गे-गजेंद्राची.

पूण शीलाचें तशें नाशिल्लें, ताका प्रथमेश आवडटालो. पूण ताचेविशीं ताका पुराय खबर नाशिल्ली. गिरेस्तकायेन तो आपल्या आवय-बापायच्या तोडिचो आसचोना, हें कळटालें शीलाक. पूण ताची जात कितें, ताच्या घरचीं मनशां कशीं आसतलीं, हें समजुपाक शीलाचे कल्पने भायर आशिल्लें.

आपलो आवय-बापूय जातीक म्हत्व दिवचो ना. पूण लोकांचें आनी सोयऱ्यां-धायऱ्यांचें कितें? आयज लोक दुडवांक आनी अधिकाराकूच सलाम करतात. दुर्गाक आयज मान मेळटा तो ताच्या शिक्षणाक लागून न्हय, तर तें गजेंद्राची बायल म्हूण. ही गजाल लक्षांत घेवन फुडें कितें घडटा तें पळोवया म्हूण शीला तोंड धांपून वग्गी रावलें.

दुर्गान शीलाचे जापेची वाट पळेली. ताचो प्रतिसाद मेळना तें पळोवन ताका दिसलें, शीलाक लग्नाचो प्रस्ताव मान्य आसा. लजेन तें उलोवंक फाटीं सरता.

दुर्गान चिंतलें, ह्या विशयाचेर चड विचार करून कांयच अर्थ ना. हे वेळार घोव-बायले मदें व्हडल्यो-शो घासाघिसी जाल्यो ना.

दुर्गे लग्नाचे तयारेक लागलें.

:३६:

गजेंद्र नायकाच्या बंगल्यार आता खोशेचें वारें नेटान व्हावूंक लागलें. दुर्गाच्या मनाची कळी आता फुल्ली. घरांतल्या नोकर-चाकरांच्या चेऱ्यांचेर उजवाड केन्ना फांकलो, हें कोणाक कळ्ळें ना. घरांतलें वातावरण बदल्लें आनी ताचो परिणाम घरा भायल्या वातावरणाचेरूय हळुहळू जावंक लागलो. काळखांत लिपून बशिल्लो उदेंतेचो सूर्येश्वर जसो रंगयाळें रूप धारण करून, हळुहळू वयर येवन, धर्तरेर भांगराळें

हांशें पातळायता, तेच परी दुर्ग्याल्या बंगल्या भायले बागेंतले फूलरुपी शतसूर्य परजळूं आनी परमळूं लागले. तशें पळोवंक गेल्यार बागेंतल्या फुलांची आनी फुलझाडांची नदर दीस-रात दुर्ग्याल्या हालचालीचेर आसताली. दुर्ग्यालें प्रियदर्शन तांकां सतत घडचेंशें दिसतालें. आताय घरांतल्या आनी घरा भायल्या चराचराची तीच गत जाल्ली. दुर्गें आपली खोशी उत्तावपाक ह्या जनेला कडसून त्या जनेलाकडें पासयो मारतालें, सामकें पिशें कशें! दुर्ग्याल्या ह्या पिशेपणाक लागून घर आनी घरा भायलें सैमूय सामकें पिशें जाल्लें.

''तायबाय, कितें जालें गे? आमकांय सांग मगे! आमकांय जावं दी तुजे खुशालकायेचे वांटेकार.'' आबोलें वावराडेन दुर्ग्याक उत्सुकतायेन प्रस्न केलो.

''आगो, शीलाच्या लग्नाचो विचार चल्ला आमच्या घरांत. हांव आवय न्हय गो ताची. म्हाका खोस भोगची ना जाल्यार आनी कोणाक भोगतली?''

''आमच्या शीलाबायचें लग्न आसा? केन्ना, आनी न्हवरो खंयचो गे बाये...'' आबोल्यान प्रस्नांचो मारो चालूच दवरलो.

''लग्नाचो विचार चल्ला गो, पूण न्हवरो थारूना अजून.'' दुर्ग्यान जनेला भायर नदर मारून विचारमग्न जावन म्हळें.

हें आयकून चुळबुळ्या आबोल्याचे पांय थंय चड वेळ तिगले ना. शीलाच्या लग्नाची गजाल चड म्हत्वाची आशिल्ली आबोल्याक. गिरेस्तांल्या घरांतलें लग्न आशिल्लें तें! असल्या लग्नाक चड करून वावराड्यांची चंगळ जाता. एक तरी साडी-कापड मेळटाच. ते भायर भुरगे-बाळांक गोडधोड पोटभर खावंक मेळटा.

आबोल्यान आपलें काम कशाकशेंय सोंपयलें. उपरांत ताणें बद्द त्रिवेणीआकागेर धांव मारली.

कोण हें त्रिवेणी आका? हें त्रिवेणी आका म्हणल्यार दुर्ग्याली एक लागसारची शेजान्न. घोव मेल्ल्यान भावागेर येवन रावता. काम-धंदो

कांयच ना. वाचपांत वेळ घालयतलें म्हणल्यार अक्षरशत्रू. भावागेर खावंक-जेवंक भरपूर. ताका लागून चिंतेचें कारण ना. मेळत त्यो राटावळी आनी उचापती करपाक वेळ भरपूर मेळटालो तिका. तिचें सगळ्यांत आवडिचें काम म्हणल्यार हांगाच्यो खबरो थंय दिवप. ताका लागून हेर शेजाऱ्यांनी तिका 'गोमन्तक' हें नांव दिल्लें.

आबोल्यान खर्शेत-खर्शेत वचून त्रिवेणील्या बल्कावांत थपकल मारली. थपकलेचो आवाज आयकून त्रिवेणीआका खंयच्यानूच धांवून आयली. येवन तिणें आबोल्याच्या तोंडाकडें आपलो कान धरलो.

त्रिवेणीआकाचो कान फाटीं सरलो. आबोल्याचें तोंड पयस जालें.

खरें म्हळ्यार त्रिवेणीआकाक फुतफुतपाची गरज नाशिल्ली. ती चाडयाळी नाशिल्ली. खोजन्या आवाजाचीय बायल नाशिल्ली ती. पूण आबोल्याक हळू उलोवंक कशेंच जमनाशिल्लें. ताणें तोंड उक्तें केल्यारूच आख्खें घर गाजतालें. आबोल्याचो आवाज कोणाकूच सोंसनाशिल्लो. न्हिदिल्लीं भुरगीं तर आबोल्याच्या आवाजान जागीं जावन किंळांच्यो मारतालीं. ताका लागून त्रिवेणीआकान आबोल्याचेर फुतफुतपाची सक्ती केल्ली.

लग्नाची गजाल त्रिवेणीआकाच्या कानार घाल्या उपरांत आबोल्याचो आत्मो शांत जालो. तें आपल्या कामाक गेलें.

हेवटेन त्रिवेणीआकान घरच्यांक कळनासतना हरीआपाले बायलेक - किशोरीबायक फोन लायलो - "हालो, हालो!"

"हॅलो..."

"हालो! कोण उलयता!"

"तुमकां कोण जाय?"

"किशोरीबाय आसा घरांत?"

"हय उलयतां. किशोरीच उलयतां हांव."

"हां, किशोरीबाय! हांव त्रिवेणी उलयतां." त्रिवेणीआका फोनारूय फुतफुतली.

“कोण त्रिवेणीआका, कितें गे बाये! तुजो आवाज आयकूंक आशेलां मगे हांव.”

“कितें सांगतलीं तुका पुता हांव. दोन दीस जाले नंबर घुंवणायतां. पूण फोन लागच ना.”

“हय गे बाये, म्हजेंय तशेंच जालें.”

“तें भंगूं, हांवें तुका फोन कित्याक केला तें जाणा तूं?” त्रिवेणीआका परत फुतफुतली.

“आंवंय! म्हाका गे बाये कशें कळटलें, तुवें सांगल्यार मगे?” किशोरीन त्रिवेणीक पिशांत काडलें.

“राव सांगतां. तूं त्या गजेंद्र नायकाक वळखता काय ना?”

“बऽऽरो! ताका आनी बाये ह्या शारांत कोण वळखना म्हूण आसा? त्या भायर आमगेलो सोयरो मगे तो!” किशोरीन गर्वान म्हळें.

“मास्तरालो जावंय मगो तो?” त्रिवेणीआकान नातें काडलें.

“मास्तर न्हय आं, ‘सर’ म्हण.” किशोरीन सावरपाचो यत्न केलो.

“जावं कोणूय. आमकां कित्याक पडलां.” – त्रिवेणी

“पूण तुवें फोन कित्याक केला तें तरी सांग मगे?” किशोरी मात्शें उबगलें.

“बेटेंच उबगूं नाका. तुज्याच फायद्याची गजाल.”

“म्हज्या फायद्याची, ती गे बाये आनी कसली?” किशोरीन एका हातांतलो रिसिव्हर दुसऱ्या हातांत घेतना मुजरत हातांतल्या तोडे-पाटल्यांचो खळखळ केलो.

“राव सांगतां, बेटेंच काचाबूल जावं नाका.” त्रिवेणीआका भांगराच्या खळखळान आबूज जालें.

“काचाबूल कोण जालां गे बाये. तूंच तर घुवणावन घुवणावन उलयता. हाड बाये तुजी गाडी एकदांची रुळार. म्हाका कामां आसात.”

“कामां मागीर कर. पयलीं म्हजें आयक. गजेंद्राक एकलेंच चली आसा, हें जाणां मगो तूं?”

“हय जाणां. शीला नांव ताचें.” किशोरीन थंडसाणेन जाप दिली.

“ताचें लग्न आसा खंय!” त्रिवेणीआकान खबर दिली.

“अशेंऽऽ, कोणाकडें गे बाये?” किशोरीबायन अजापान प्रस्न केलो.

“थळ अजून थारूं ना बाये!”

“आवंय, हें गे बाये आनी कितें, नुस्तें आसा दर्यांत आनी घरांत आळेण वाटूंक बसल्यांत!”

“तें कितेंय जावं. आमकां कित्याक लागता, आमचें आमी पळोवया. तुगेलोय चलो आसा न्हय गो लग्नाचो. पळयात बाये जमता जाल्यार. असलीं थळां सोदून मेळनांत म्हणून म्हणटां तुका.” त्रिवेणीआकान आपलो कळवळो उलोवन दाखयलो.

त्रिवेणीआका एकटेकूच फोन करून वगी रावली ना. तिचेकडें आनीकूय कितलेशेच नंबर आशिल्ले. लागली धुंवडावपाक. अशें करून आपूण कितें तरी व्हडलें समाजकार्य करतां, हाचें श्रेय पदरांत घालून घेताली ती!

मडगांवच्या एका घरंदाज नायकाले चलयेचें लग्न जुळून येवपाचें आसा म्हणपाची गजाल गोंयभर हां-हां म्हणटा फां-फां जाली आनी फुरसत धरिनासतना मानेस्तांले फोन खणखणूंक लागले.

गजेंद्र नायकालें चली वाडलां, ही गजाल सगळ्यांकूच खबर आशिल्ली. तें कॉलेजींत शिकता म्हूण आयज मेरेन मागणी घालूंक कोणूच फुडें सरनासलो. पूण त्रिवेणीआकाल्या फोनान सगळ्यांकूच जाग हाडली. फोना उपरांत ते रातीकडें, चड करून न्हवऱ्यां बापायंक न्हीद लागली ना. सगळी रात तळमळ्यांनीं काडली ताणीं. दीस उजवाडटलो केन्ना आनी गजेंद्र नायकाची भेट घेतले केन्ना अशें जाल्लें तांकां.

दुसरे दिसा गजेंद्र नायकाल्या बंगल्या मुखार सकाळीं सकाळीं गाडयो उब्यो आशिल्ल्यो दिसल्यो आनी गाडयो म्हूण कसल्यो? नव्या नव्या मॉदेलाच्यो! सोबीत आनी गिरेस्तकायेचें प्रदर्शन घडोवपी.

बंगल्या मुखार गाडयांची रांक पळोवन थंयच्या लोकांक इल्लो दुबाव मारलो. काशीबाय बी खंवसलीना मू? गिरेस्तांगेर कोणूय भायर पडल्यार चडशी रडारड बी जायना. दारांत उबी आशिल्ल्या गाडयांची रांक पळोवन समजुपाचें की, घरांतल्या कोणाक तरी देवाचें अपोवणें आयलां. पूण लोकांचे तकलेंतलो दुबाव चड वेळ तिगलो ना. ही गर्दी जमल्या ती शीलाचे सोयरीगतीक ही गजाल तांकां रोखडीच कळून आयली. आबोल्याच्या व्हांवत्या तोंडांतल्यान ती कोणाच्यातरी कानार पडली. पूण ताची वाच्यताय करपाचें धाडस मात कोणें केलें ना. कारण पुरावो आसूं वो नासूं मोट्या मनशांच्यो खाजगी गजाली ल्हानांनी व्हाऱ्यार घालपाच्यो नासतात. पूण आता तर प्रत्यक्षांत सगळें दिसतालें.

आदल्या लोकांमदीं एक म्हणणी घोळटाली ती अशी, धांवन धांवन आयलो आनी तारीकडे पावन रावलो. तेच प्रमाण आशाळू, धनाडे न्हवरेकार अदाशांभशेन धांवन आयले आनी गजेंद्र नायकाल्या दरवंट्याकडे येवन थांबले. तातूंत सगळ्यांत पयलीं आशिल्ली कुटूबाब गावणेकाराली गाडी. आपले पयलीं व्हंकलकारांक भेटपाची संद कोणाकूच मेळची न्हय म्हूण कुटूबाब घरकान्नीसयत आयिल्लो. पूण नाडा घर पाड म्हणटात तें फट न्हय.

गाडयेंतल्यान पांय भायर काडचे पयलीं कुटूबाबान हारशांतल्यान फाटीं पळेलें. फाटीं गाडयांची रांक लागल्या ती पळोवन कुटूबाबाक कच्च जालें. आपली फसगत जाली हाची जाणीव ताका जाली. आपणें चिंतलें एक आनी जालें भलतेंच हाका लागून तो सामको बेजार जालो! ताणें आपले घरकान्नीक, ताराबायक म्हळें, ‘‘फाटल्यान वळून पळेलां तुवें?’’

‘‘आगे म्हजे बाये! गाडयांची रांक मूं!’’ ताराबायन व्हडा कश्टांनी गळो घुंवडायलो. भांगरांनी जडेल्लो तो.

‘‘तारा, आमचीं शाणेपणां चलतशीं दिसना म्हाका. आमी हांगच्यान कूस मारल्यार बरी.’’

‘‘कूस मारून खंय वतलीं?’’

‘‘घरा आनी खंय?’’

‘‘आमी घरा या. पूण म्हाका परत आपयल्यार येवंची ना हांव आं, सांगून दवरतां.’’ ताराबाय पिंजळ्ळी.

‘‘कसलीं पिशेपणां उलयता तूं! काय बरें थळ आसा. प्रयत्न करूंक कितें जालां? आयिल्ली संद वगडावंक फावना.’’ कुटूबाबान आस उक्तायली.

‘‘हें काय बरें थळ आनी आमी कितें उणीं आसात व्हय? भांगरा सारको चलो म्हजो. शेंकड्यांनी थळां धांवून येतलीं. हेच व्हंकलेक कितें म्होंव लागलां?’’ ताराबाय फणफणली.

‘‘तुमकां बायलांक वेव्हार म्हणटात तो साप्प कळना. संद चलून आयल्या, फातर मारून पळोवपाक कितें जालां काय म्हणटां हांव? दाट जाल्यार सान्नां आनी पातळ जाल्यार पोळे. चली भुरगें देखणें आसा, शिकिल्लें आसा. शिवाय आवय–बापायली एकलीच धूव आशिल्ल्यान वरदक्षणाय गडगंज पडटली. ते भायर भाटांबेसां इल्लीं ना तांकां.’’

‘‘तुमकां व्हंकले परस भाटांबेसांचेंच चड पडलां. खंय व्हरूंक जाय तीं? आसात तींच सांबाळटा म्हणसर नाका शेवट जाता.’’ ताराबायन बेजारून म्हळें.

‘‘ह्या तेंपार संपत कोणाक नाका जाता व्हय? घे म्हूण येता तें न्हयकारतल्याक कोणूय पिसो म्हणटलो.’’

घोव–बायलेची भासाभास चलतासतना फाटल्यान गाडयांचे एकार एक हॉर्न वाजूंक लागले. ते आयकून कुटूबाब भानार आयलो. ताणें चिंतलें आनी हांगा ताटकळप समा न्हय. ताणें आनी कळाव केलो ना. झटक्यांत गाडी स्टार्ट करून थंयच्यान पो काडलो.

मनीस कितलोय शिकलो, कितलोय हुशार आसलो, तरी ताचो ‘अनुकरण मोग’ लिपून उरना. मनशाचे पूर्वज खंय वानर आशिल्ले अशें विद्‌वान म्हणटात. मनशांची अनुकरणप्रियताय लक्षांत घेतल्यार विद्वानांचें

म्हणणें पटऽ सारकें आसा.

कुटूबाबान आपली गाडी धांवडायली आनी ताच्या फाटोफाट हेरांनी थंयच्च्यान कूस मारली. ताका लागून निमणे गाडयेक दरवंट्याकडें थांबूंक आपसूक संद मेळ्ळी.

दरवंट्या लागसाराक एक वडाझाड आशिल्लें. ड्रायवरान गाडी व्हरून झाडामुंदांत उबी केली.

ह्या रंगयाळ्या गाडयांची हालचाल, बंगल्यांतले धनी लोक आनी कर्मचारी केदो वेळ अजापान पळेताले. दरवंट्या भायर कितें चल्लां तें कोणाक कांयच कळनासलें. गाडयांचें भिरें येता कितें, थांबता कितें आनी नाच्च जाता कितें हाचें गुपीत कोणाक कळनासलें.

इतल्यांत ते नवेताल्ल गाडयेंतल्यान चार-पांच मनशां दारां उगडून भायर आयलीं. तातूंत एक पन्नाशेंतलो दादलो, दोन आरसाट्यो बायलो, वांगडा एक सात-आठ वर्सांचें चली भुरगें आनी एक साठींतली बायलमनीस - ल्हाना-व्हडांची आतेबाय-आशिल्ली. हातुंतलीं दोगांच मनशां पुरसोबाब आनी आतेबाय - सोडलीं जाल्यार भोंवडेक येतात तशीं आयिल्लीं. उद्देशहीण दिसतालीं तीं.

गाडयेंतल्यान भायर सरनाफुडें पुरसोबाबान-पन्नास टक्के केंसाळ खड्ड्याचेर फणी भोंवडायली. आतेबायन आपली पैठण सांवरून घेतली. गोंट-पाटल्यांचो मुजरत खळखळ केलो. हेर बायलांनी आपल्यो साडयो फाफुडल्यो. हारसुल्यो भायर काडून, लेंसांनीं तांबडे ओंठ चिपून घेतले.

हरशीं सैमांतलें वातावरण कशेंय आसूं, हांगाचें मात देवाचे सासायेन आनी गजेंद्र-दुर्ग्याचे पुण्यायेन, बंगल्या भोंवतणचें वारें थंडाय पांगरून व्हांवतालें. ह्या बंगल्यार कोणूय परको मनीस येतांच वाटिकेंतलीं पुष्पां हालून धोलून आयिल्ल्या गेल्ल्याचें स्वागत करतालीं.

जे सुवातेर बरीं मनां वसतात - कितलींय थोडीं आसूं मागीर तीं - थंय बरेपणाचो आसपाव आसताच. गजेंद्र-दुर्ग्यालीं सुमनां बंगल्या भोंवतणीं कवचां जावन वावुरतालीं. ह्या कवचां मुखार कितलेय कुसडे

शिगमो खेळूं लागले, कितलींय कुसडां फुगड्यो घालूंक लागलीं, तरी ताच्या कुसडेपणांची ताकत गजेंद्र नायकाल्या बंगल्या भोंवतणचें वातावरण दुशीत आनी विखाळें करूंक शकचें नासलें.

दरवंट्याकडें उबीं आशिल्लीं मनशां आपल्यागेरूच आयल्यांत, हें दुर्ग्यान पारखिलें. दरवंटो उगडपाक कळाव लागलो ना. नायक दांपत्य हांसत्या चेऱ्यान घडघडीत फुडें आयलें. कोण, खंयचीं, कित्याक आयल्यांत हाची चवकशी मागीर करची म्हूण तें निरागस जोडपें सोयऱ्यांक घेवन बंगल्यांत प्रवेशलें. अशें करतना तांचीं मनां प्रफुल्लीत जाल्लीं.

बंगल्यार अडेचें अशें कांयच दिसनासलें. कसलीच धांवपळ दिसनासली. नोकर चाकर धनयां प्रमाण शांत सबावाचे आशिल्ले.

बंगल्यार सर्वसामान्यांक बसपा-उठपा खातीर व्हड साल आशिल्लें. खास लोकां खातीर एक खास कूड आशिल्ली. कूड ल्हान आसली तरी सात-आठ मनशां आरामांत बसूंक शकतालीं. तसलींच मनशां आयल्यार कुडीचें दार उकतें जातालें. कूड सदांकाळ सजिल्लीच आसताली. कुडींतली शांतताय पळोवन कोणाकूच मोटयान उलोवपाचें धाडस जायनासलें.

दुर्ग्यान सोयऱ्यां वांगडा हे खाशेले कुडींत प्रवेश केलो. तांकां मानान बसोवन घेतलीं. दुर्ग्याच्या तोंडांतल्यान आता म्होवाळ उतरां भायर पडूंक लागलीं. नायक जोडप्यांकडें बडेजावाचें कसलेंच चिन्न दिसनासलें. खरी गिरेस्तकाय नंदताली थंय!

आतेबायन चिंतलें, हांगा चांचाळतायेक कसलोच वाव ना. गोंट-पाटल्यांचो आवाजूय कोणाच्या कानपटार आदळचो ना. तेन्ना मुद्याचें उलोवन हांगाच्यान निसटल्यार बरें...

''दुर्गेबाय वळखतशें दिसना आमकां.'' आतेबायन तांबड्या ओंठांतल्यान तीन तरांचे दांत दाखयले. तांतलो एक निजाचो आनी धवोफुल्ल, दुसरो निजाचो आसलो तरी काळशेल्लो आनी तिसरो कुशीक बसून भांगराचें दर्शन घडयतालो.

“ना वळखूंक कितें जालां, पुणे-मुंबयंत रावतात तर आमी? गोंयांतच तर रावतात.” फेर्राद ज्युदयेंतल्या बोल्सांतलो लेंस काडून खड्ड्यार ओडीत पुरसोबाब उलयलो.

“आमचें हालीं सोयऱ्यां-धायऱ्यांगेर येवप-वचप इल्लें उणें जालां. आई वताली. पूण तिगेलेंय आतां वय जालां न्हय?” दुर्ग्यान नमळतायेन म्हायती दिली.

“आता वेळ कित्याक, मुद्याक हात घाल्यार बरो.” पुरसोबाबान बोल्सांतली काळी तोपी काडून वारें घाल्ले भशेन केलें आनी तोपी परत एकदां अचळय माथ्यार दवरली.

“सुरवात तूं करता काय हांव करूं?” आतेबायन पुरसोबाबाक प्रस्न केलो.

“आता मेरेन सगळें तूंच करीत आयल्या. आतांच हांव कित्याक? तशें म्हाका जमना अशें न्हय. तरी सुरवात तुवेंच केल्यार बरी. म्हजी गरज पडलीच जाल्यार मागीर पळोवया.”

पुरसोबाबान परत एकदां माथ्यावेली तोपी काडून बोल्सांत घाली आनी माथ्यार हात ओडलो. ताका आपल्याच माथ्यार हात ओडपाची संवय जाल्ली.

“तशें जाल्यार बरें आसा. मनांतलें उलोवन एकदांचें मेकळें जातां. ताकाक येवन गाडगो कित्याक लिपोवया! खरें मूं पुरसोबाब”

“म्हगेलें खरें-खोटें नाका. तूं उलयता तेंच सारकें आसतलें. गो अहेड.” पुरसोबाबान आपली रेडिमेड इंग्लेज भायर काडली.

“तुमचें अपुरबायेचें चली-शीलाबाय आमच्या धनंजय ऊर्फ धनेबाबाल्या घराब्याचो मान आनी सोब वाडयतलें अशें आमकां दिसता. आमी ताका मागणी घालूंक आयल्यांत.”

आतेबायलीं हीं उतरां आयकनाफुडें दुर्ग्यान आनी गजेंद्रान एकमेकाकडें तोंड आं करून अजापान पळेलें. तांच्या मनांतलो गोंदळ पुरसोबाबाल्या बारीक नदरेंतल्यान सुटलो ना. तो फट्ट करून उलयलो,

“आगे आतेबाय, तांकां आमची पुराय वळख तरी करून दी मगे. न्हवरो कोण, आवय-बापायचें नांव कितें, घराणें खंयचें, रावतात खंय, हें सगळें आदीं कळूं नाका तांकां? ओगीच उकल्ली जीब लायली ताळ्याक म्हणल्यार जाता? आमच्या गोंयांत धनेबाब-मोनेबाब बी कितलेशेच भल्ल्यात. कितें म्हणटा गो बाय?” पुरसोबाबान दुर्ग्याकडें पळोवन प्रस्न केलो. तेन्ना दुर्ग्यान फक्त मंद स्मित केलें.

आतेबाय तशी कसलीच गजाल तिखटमीठ लावन् सांगपाक फिशाल. तिणें आनी कळाव केलो ना. तिचे जिभेवेल्यान उतरांच्यो ल्हायो फुलूंक लागल्यो. न्हवरो, तागेल्या आवय-बापायलें कूळ, तागेलीं सोयरीं धायरीं खंय-खंय पातळ्ळ्यांत हाची पुराय म्हायती पटापट सांगून उडयली. तातूंत तांच्या भाटांबेसांची आनी गिरेस्तकायेचीं वर्णनांय फोण्णा मारून केलीं.

गजेंद्र येदो वेळ शांत मुद्रेन बसून आशिल्लो. ताणें आतेबायलें पुराय उलोवणें गंभीरतायेन आयकून घेतलें. आतेबायन सोयरीक हाडल्या ती धनेबाबाल्या मदल्या पुताक इतलेंच ताणें लक्षांत घेतलें.

ह्या धनेबाबाविशीं दुर्ग्याक कसलीच खबर नाशिल्ली. गजेंद्र मात ताका बरेभशेन वळखतालो. गजेंद्राच्या बापायची आनी धनेबाबाची दाट आमिजात आशिल्ली. काशीबायचेंय येवप-वचप आशिल्लें धनेबाबागेर. आयज दोनूय घराबे एकमेकाक विसरून वचपाचे वाटेर आशिल्ले आनी आता आतेबाय धनेबाबाल्या चल्याक सोयरीगत घेवन आयिल्ली.

“आतेबाय, म्हजे बापायची धनेबाबाकडे बरी इश्टागत आशिल्ली. म्हाका त्या कुटुंबाविशीं कल्पना आसा. तेन्ना दोनूय घराब्याचे संबंद जुळून येवपाक कसलीच आडखळ येत-शी दिसना म्हाका.” गजेंद्रान आपलें मत उक्तायलें.

“तशें जाल्यार शुभच्छ शीघ्रम. येता त्या आयताराक व्हंकल पळोवपाचो कार्यक्रम दवरल्यार कशें?” आतेबायन प्रस्न केलो.

“बरें आसा, तशेंच करुया.” पुरसोबाब खिणांत उलोवन मेकळो जालो.

फुडले आयताराक सकाळच्या णवांक न्हवरो-व्हंकलेक एकठांय हाडपाची कार्यावळ थारायली आनी चड करून व्हंकले आवयच्या माथ्यावेलें चेंपण आता वाडूंक लागलें.

आतेबायलो पंगड येवन गेलो आनी फुडल्या चार-पांच दिसां भितर नायकाल्या घराक दूजभर वेंचीक म्हापुरसांचे पांय लागले. वेंचीक म्हणपाचें कारण, हींच घराणीं गजेंद्राल्या घराण्यांकडें कसलेय बाबतींत सर्त करूंक शकतालीं. आता तांगेलें एकामेकाकडें येवप-वचप नाशिल्लें म्हूण कितें जालें? प्रत्यक्षांत कांय जणांची वळख नाशिल्ली म्हूण कितें जालें? आदीं सावन एकामेकाकडें धागेदोरे जुळोवन आसात हे लोक. कोणागेर कितले न्हवरे वाडून आसात, कोणागेर कितल्यो व्हंकलो लग्नाच्यो जाल्यात, कोणाली गिरेस्तकाय कितली वाडल्या, कोणालीं घरां कितलीं पोखरल्यांत, कोणालीं सोयऱ्यां खंय खंय आसात, तांतलीं खंयचीं लागीं करपाचीं-खंयचीं पयस करपाचीं हाचो हिशोब खांक्याक मारून बसल्यात हे लोक!

ह्या घरांतली संपत, हक्कान लग्नाच्या निमतान आनी कायद्यान दुसऱ्याच्या घरांत व्हरप, हो तांचो पारंपारीक धंदो.

आयज हे लोक गोडाच्या वासान दोमळे धांवन येतात, तशे आयल्यात.

कित्याक आयल्यात हे लोक? सोयरीगतीक! सोयरीगतीक आयल्यात म्हणचे व्हंकलेक बी पळोवंक आयल्यात अशें कोणें समजचें न्हय. व्हंकलेचें हांगा कोणाक कांयच पडिल्लें ना. व्हंकलेच्या गुणांचीय तांकां परवा ना. सुरूपाय, रंगरुपाचेंय तांकां कोंत ना. शिक्षणाचें आनी शाणपणाचेंय तांकां व्हडलेंशें म्हत्व ना. तांकां जाय तो फकत नायक घराण्याकडे संबंद आनी तांची संपत. व्हंकल कुड्डी, भेरी, लंगडी, लुळी-पांगळी आसली तरी चलता. तिका हाडून घरांत पुजेक लावपाची आनी तिची पूजा करपाची. हांगेले दिवटे मागीर दुडवांच्या नेटार गांवार शेण खावंक मेकळे! आसत कांयकडे आडवाद. पूण चडशें सगळेकडे अशेंच चल्लां.

जें व्हकलांचे बाबतींत तेंच न्हवऱ्यांचेय बाबतींत. प्रतिश्ठेक, संपत्तेक, जाती-धर्माक लागून आपल्या देखण्या सुस्वभावी भुरग्यांक तीं वयांत येतकच धोलये, सोंडये, दांतये, काळे-कुरूप, मदांध हांच्या गळ्यांत बांदून मेकळे जातात. हांगा माये-मोगाचो विचार नासता, विचार जाता तो फायद्याचो, संपत्तेचो आनी परंपरेचो.

नायक दांपत्त्यान दारांक आयिल्ल्या सोयऱ्यांक मायेमोगान येवकार दिलो. तांचें म्हणणें आस्थेन आनी बारकायेन आयकून घेतलें. फाव त्या दादल्या-बायलांच्या कपलाक लावन तांचो उचीत असो सन्मान केलो.

आपले धुवेची सोयरीक आता चालीक लागली, अशें म्हूण दुर्ग्यान आयिल्ल्यांक भोवमानान आवियार केले. आपल्या घरांत, आपल्या लग्नाची तयारी चालीक लागल्या, हाची पुराय कल्पना शीलाक आशिल्ली. घरांतले प्रत्येक हालचालीचेर ताचें लक्ष आशिल्लें. फुडल्या आयतारा न्हवरो आपल्याक पळोवंक येतलो, हेंय जाणां आशिल्लें तें. मात न्हवऱ्यान व्हंकलेक पळोवपाक व्हंकलेल्या घरा येवप, ही रीत मान्य नाशिल्ली शीलाक. आनी कोणूय आधुनीक विचारांचें, अस्तंती संस्कृतायेंत मुरिल्लें शिक्षीत भुरगें आशिल्लें जाल्यार आपल्या आवय-बापायक फट करून म्हणटलें आशिल्लें, 'तुमी म्हज्या लग्नाचे भानगडींत पडूं नाकात आं, हांवें म्हजो जोडीदार पळोवन दवरला आनी हांव ताचेचकडें लग्न जातलें.'

शीलाय तशें सांगूंक शकतालें. तशें सांगपाचें धाडस आशिल्लें ताका. तेंय कॉन्वेंटांतल्यान शिकून फुडें आयिल्लें भुरगें! तरी आवय-बापायच्या उतरा भायर वचपाचें धाडस ताणें केलें ना. हाचें कारण, ताच्या गुरूजनांनी ताचेर केल्ले संस्कार!

एकदां ताका एका शिक्षकान शिकयतां-शिकयतां म्हणिल्लें, "बाय शीला मनीस जल्माक येतकच ताका खूबशीं पांगां फेडचीं पडटात. पयलें आवय-बापायचें, मागीर शिक्षकाचें, धर्माचें, समाजाचें आनी राष्ट्राचेंय बी. अशें जरी आसलें, तरी आवय-बापायक सगळ्यांत व्हड

मान दिवंचो पडटा. मात पिशेपणाक लागून अडाणी आवय-बापूय जर आपल्या भुरग्यांचे उदरगती आड येवंक लागलो तर भुरग्यांनीं तांच्यापसून इल्लीं पयसूच राविल्लीं बरीं. कारण माड कितलोय वाडलो म्हूण ताच्या मुंदांत बसप संकश्टाचेंच आसता.''

शिक्षकांनीं जें कितें मन लावन शिकयल्लें, शीला तें तकलेंत घट्ट धरून आशिल्लें.

आपलो आवय-बापूय शाणो आसा. तांचेकडल्यान आपले धुवेचें अहीत सोंपेपणान घडचें ना, हाची पुराय खात्री शीलाक आशिल्ली.

तरी ताच्या मनांतली पाल चुकचुकताली. ताका दिसतालें आपल्या आवय-बापाय कडल्यान कितेंय वांकडेंतिकडें घडलें जाल्यार? चार पांयांचो घोडो चुकता, थंय दोन पांयांच्या मनशांचें कसलें कोंत!

खूबशा लोकांक लग्नाचो अणभव आसताच अशें ना. पूण ते लग्नाच्या माटवांतल्यान गेल्ले आसतात. शीलाय तांतलेंच एक अशें म्हणूं येता. शीलान सोयरेधायऱ्यांचीं, इश्ट मैत्रिणींचीं लग्नां पळेल्यांत. लग्नाक नाशिल्ले तड्डकी खंयच्यानच एकठांय जातात. हे लोक भायल्यान सभ्य दिसतात. पूण आसतात कुशिल्ल्या मनाचे. लग्नकारांचो केन्ना कसो घात करीत हें कोणाच्यान सांगूं येता? हजार सज्जनां मदीं एक-दोन तरी दुश्ट प्रवृत्तीचीं मनशां आसतातच ह्या संवसारांत! चड करून लग्नाक विघ्न हाडपी मनशां खंयच्यानतरी उदेताच. आनी आपली आवय तर सादीभावार्थी आनी भोळी. ती केन्नाय पाड्या मनशांच्या कचाट्यांत सांपडून आत्मघात करून घेवंक शकता. मागीर 'ओ' म्हणून जाता?

हाकाच लागून सोयरीगतीच्या काळांत शीला आपल्या आवय-बापायचे हालचालीचेर बारकायेन नदर दवरून आशिल्लें.

ते भायर आनीक एक म्हत्वाची गजाल ताणें मनांत पक्की करून दवरिल्ली. आनी ती ही की, आवय-बापायन पसंद केल्लो न्हवरो आपूण आपल्याचेर लादून घेवचें ना. आपले धुवेक न्हवरो पळोवपाची आस

तांणीं भागोवन घेवची होच हेत आशिल्लो शीलाचो. ताचें खरेलें प्रेम आशिल्लें तें फक्त प्रथमेशाचेर!

:३७:

धीरू ज्या आयताराची वाट पळेत बशिल्लो, तो आयज उदेल्लो. धीरुलें खूब दिसाचें सपन पुराय करपाचो दीस आशिल्लो तो. शीलाचो बदलो घेवपाची संद ताका आयज आयतीच मेळटाली. ती मेळोवपाक ताणें आतेबायची मजत घेतिल्ली. मजत घेवपाक धीरून आतेबायक धनाची आस दाखयल्ली. आनी आतेबाय तर अशे तरेची बायल आशिल्ली, की दुडवांचे आशेन ती आपले धुवेचो लेगीत घात करूंक शकताली. फसोवन सोयरीगती घडोवन हाडपाक तिचो हात धरपी कोणूच नाशिल्लो त्या वाठारांत. अशे तरेच्यो सोयरीगती करून कितल्याशाच चलयांच्या फुडाराची वाट लावन सोडल्या तिणें.

धुवेक घरांतल्यान भायर काडपाचे जेन्ना विचार चलतात, तेन्ना चड करून आवयचें काळीज सकयल-वयर जाता. आनी शीला तर दुर्ग्यालें एकूच चली. ताका पळोवपाक फाल्यां न्हवरेकारां येतलीं ह्या विचारांनी दुर्ग्याक सगळी रात न्हीद पडली ना. शीलाक मात कोणाचें कांयच पडूंक नाशिल्लें. सगळी खबर आसुनूय आयज तें सदां परस चड वेळ हांतरुणार लोळत रावलें.

''आगो बाय, उठ मगो, सात जावन गेलीं. तोंड धू, च्या पी आनी मेकपाचे तयारेक लाग बाये!''

''म्हाका आनी मेकअप खंय व्हरूंक जाय गे!''

''खंय व्हरूंक जाय, खंय व्हरूंक जाय म्हणचे? सामकें भदरें कशें उबें रावतलें तांच्या म्हऱ्यांत?''

''तशें ना रावचें. पूण गणसाबैलाभशेन शिरंगारून कोणाय म्हऱ्यांत उबें राव म्हळ्यार तें जमचें ना म्हाका. मेकप पळोवन पसंत करतल्याकडें लग्न जावपाचें ना म्हाका.'' अशें म्हणून शीला निर्शेवन, तुवालो घेवन

भितर गेलें.

शीलाली निर्शेवणी पळोवन दुर्ग्याक गणेशपुजेक कुसको नाल्ल मेळिल्ले भशेन दिसलें. तरी तें शीलाचो सभाव लक्षांत घेवन फुडें कितेंच उलयलें ना. शीला फाटल्यान तें मोन्यानीं भितर वचून फुडल्या कामाक लागलें.

शीलाच्या मनांत कितेंय आसूं. दुर्ग्यालें काळीज मात सकयल वयर जातालें. एके व्हंकलेचे आवयचें काळीज आशिल्लें तें. कितलेंय गिरेस्त आसलें तरी अथीर जातलेंच. दुडवांनीं मान विकतो घेवंक मेळना. तो आपले गरजेप्रमाण, दुसऱ्यांचीं मनां वळखून, वागणुकेन मेळोवंचो पडटा.

आतां सकाळचीं साडेआठ जाल्लीं. इतल्यान फोन खणखणलो. बंगल्यांतली शांतताय खिणांत भंगली. पांजऱ्यांतल्या किरान शेपटी हालोवन दोनदां किळांच मारली. दुर्ग्यान धांवून येवन रिसिव्हर हातांत घेवन तो शांतपणान कानाक लायलो.

‘‘हॅलोऽ, कोण उलयता!’’ दुर्ग्यान शांतपणान आवाज दिलो.

‘‘हांव आतेबाय उलयतां बाय! हें पळयात, आमी णव वरांमेरेन पावतां. गाडयेंत बसल्यांत.’’ आतेबाय शिस्तीची. तिचें सगळें वगतार चलता आनी हेरांनीय सगळें वगतार करचें अशें दिसता तिका.

व्हंकलकारांचेर न्हवरेकारांचो जसो धाक आसता, तसो धाक न्हवरेकारांचेर आसना. न्हवरेकारां सदांच चेपणविरयत वावुरतात. व्हंकलकारां मागीर कितलींय पेजाद आसूं.

दुर्ग्याक हरशीं भिवपाचें कसलेंच कारण नाशिल्लें. चार दीस आदीं तयारेक लागिल्लें तें. आपल्याकडें कसलीय चूक बी घडत म्हूण ताणें आपले भावजयेक - निर्मलाक आदले दिसा आपोवन हाडिल्ली. भावजयेचो आदार आसुनूय खंयतरी ताच्या मनाच्या कोनशाक दुगदूग दडिल्लोच.

‘‘निर्मला, तीं येवपाचीं जालीं. आमी भायर उबीं रावल्यार बरीं न्हय!’’ दुर्ग्यान भावजयेक सुचयलें.

“चल या. व्हंकलकारांक रीत ना. येवकारांत तीं उणीं पडलीं, अशें दिसू नाका तांकां.” निर्मलान ताकतीक केली.

दोगांय आता झडझडीत भायर आयलीं. प्रवेशदाराच्या दोशीं वटयां एकटें-एकटें उबें रावलें.

इतलें म्हणसर एक काळ्या रंगाची गाडी दरवंट्याकडें येवन केन्ना उबी रावली, कोणाक कळ्ळेंच ना. गाडयेचे हारशेय काळ्या रंगाचे आशिल्ले. गाडयेक फाटल्यान विमाना भशेन पांखाटे आशिल्ले. एकाद्रया मंत्र्याक सोबसारकी मोलादीक आशिल्ली ती गाडी. गेल्ले फावटीचे तुळेंत सगळेच बाबतींत, सोबीत आनी मोलादीक दिसताली आयजची गाडी!

हेरांचे दिश्टीन गाडी कितलीय सोबीत आसली तरी दुर्गें आनी निर्मल मात ती पळोवपाक चड वेळ रमलीं नांत. गाडयेचीं दारां उक्तीं केन्ना जातलीं आनी गाडयेंतलीं मनशां भायर केन्ना येतलीं, हाचेरच लक्ष आशिल्लें तांचें. चड करून न्हवऱ्याक पळोवपाची उत्सुकताय आशिल्ली तांकां.

केदो वेळ कोणूच भायर येनांत तें पळोवन येवकाराक उबीं आशिल्ल्या नणंद-भावजयेक एकसारके चिमटे येताले.

गाडयेंतल्यान कोणूच भायर येनांत तें पळोवन निर्मलाक बेटोच दुबाव पडलो, आमी हांगा उबीं रावल्यांत तीं पळोवन आमी येवकाराक फुडें येवचें, अशें बी दिसना मूं तांकां! ताणें आपल्या मनांतली शंका नणणेक उलोवन दाखयली.

“गाडयेंतल्यान कोऽण भायर येनांतशीं! वचून पळोवया कितें जालां तें?”

“नाका गो बाये! आमी येवकाराक हांगा रावल्यांत तेंच बरें आसा. हें कितें लग्न तर, आरत ओंवाळून न्हवऱ्याक भितर घेवंक? आनी गाडयेंत कोण आसा, हें आमकां कशें कळटलें, भायर आयले बगर!” मानी दुर्ग्यान आपलें मन उक्तें केलें.

इतले म्हणसर गाडयेचें दार उक्तें जालें आनी आतेबाय भायर आयली.

आतेबायचो झेत आयज सदांपरस वेगळोच आशिल्लो. णववारी शालू परिधान केल्लो तिणें. नाकार नथ चडयल्ली, हात कांकणां-पाटल्यांनी भरिल्ले. तोडे-गोंटांनीं सजयल्ले. गळ्यांत तरेतरेचे सुवर्णहार बसयल्ले. आंबाड्यांत सुवर्णफूल खोयल्लें. स्वताची केंसरचना अशे तरेन केल्ली की साठींतली आसून लेगीत चाळीशेंतली नटी दिसची. इतलो साजशिणगार हे खातीर की, पळेतल्याक दिसचें की आयिल्लीं मनशां असलीं-तसलीं न्हय तर तीं श्रीमंत आनी उच्च कुळांतलीं जावन आसात!

गेल्ले फावट आतेबाय हे भशेन नटून थटून येवंनाशिल्ली. ताकाय कारण आशिल्लें. ते फावट ती फातर मारून थाव पळोवंक आयिल्ली. आयज ती अधिकृतपणान शुभकार्याक सुरवात करूंक आयिल्ली.

आतेबायच्या फाटोफाट एक पंदरा-सोळा वर्सांचें चली गाडयेंतल्यान भायर आयलें. ताचो तर झेत पळोवपा सारकोच आशिल्लो. भायर येतांच ताणें आपले मिनीपर्सींतलो हारसो भायर काडून आपल्या ओंठांची लाली तपासून घेतली. चलयेची नखरेबाजी आनी आतेबायल्या भांगरप्रदर्शनांत न्हवरेकारांली बडाय उक्तेपणान दोळ्यांनीं भरताली.

त्या दोगांय बायलां फाटल्यान दोन तरनाटे भायर आयले. दोगूय नाटकांतलीं सवंगां कशे दिसताले. ताणीं अजून उलोवपाक तोंड उगडूं नाशिल्लें. घडये थोडेंच उलोवपाचें थारावन बी आयल्यात जावंये. दोगांय मदलो एकलो, श्रीमंत घराब्यांतलो आसुनूय आपूण श्रीमंत आनी सभ्य आशिल्ल्याचो आव हाडटालो. ताका सभ्यतायेचो आव मुजरत हाडचो पडटालो. कारण ताका कोणाकडें सभ्यतायेन उलोवपाची संवयूच नाशिल्ली. खऱ्या अर्थान ते दोगूय गूंड आशिल्ले - एक न्हवरो आनी दुसरो ताचो भावी धेडो.

ह्या चार मनशांचो पंगड आता पायऱ्यो चडून वयर येतात तें पळोवन, दुर्ग्यालीं पावलां अचळय फुडें सरूंक लागलीं. ताणें मानादीकांक नमळतायेन नमस्कार केलो. आतेबायच्या हाताक धरून दुर्गे आतां मंद

पावलानीं उरिल्ल्यो पायऱ्यो चडूंक लागलें. उरिल्लीं तिगांय तांच्या फाटोफाट व्हडा गर्वान पावल्यो मारूंक लागलीं.

गजेंद्रबाब बसपाकुडीच्या दारार उबो रावन, आपल्या भावी जावंयाच्या आगमनाची वाट पळेतालो. खरें म्हळ्यार ताणें भायर वचून दुर्ग्या वांगडा उबो रावंक जाय आशिल्लो. पूण ताणें मुजरत तशें केलें ना. कारण आपल्या भावी जावंयाची ताका पुराय वळख करून घेवपाची आसली. जावंयाचें घराणें आपल्या तोलामोलाचें आसल्यारूच जालें? तो कसो दिसता तो पळोवं नाका? नावाजत्या घराण्यांतलें कसलेंय अजागळ हाडून मुखार उबें केलें जाल्यार गजेंद्राक तें मात्तय खपचेलें ना. आतांच्या व्हडल्या घराण्यांतले सगळेच भुरगे कशे आसत हें कोणाच्यान सांगूं येता? तेन्ना न्हवऱ्याची खरी वळख पटले बगर ताचो मान-सन्मान करपाक गजेंद्र तयार नाशिल्लो.

आनी न्हवरो? तो तर गजेंद्रा परस कितलेशेच पटिंनीं शिटूक! कोण हो न्हवरो? तो आशिल्लो धीरू. हय, धीरूच तो. आपली मोख तडीक लावपाक आयिल्लो तो! शीलाचो सूड घेवपाक नाटक रचिल्लें ताणें. नाटकांतलीं पात्रां खूब आशिल्लीं. पूण मुखेल पात्र आशिल्लें आतेबाय.

आतेबाय अशिक्षीत आशिल्ली. पूण ती मानसशास्त्रांत प्रवीण आशिल्ली. कोणाकडें कितें आनी कशें उलोवंक जाय तें अचूक कळटालें तिका. खंयच्या प्रसंगार कोणें कशें वागूंक जाय हें ती बेसबरें जाणा आशिल्ली. व्हंकलकारांगेर भितर सरनाफुडें न्हवऱ्यान कितें करूंक जाय हें तिणें न्हवऱ्याक किराक शिकयतात ते भशेन शिकोवन तयार केल्लो.

बसपा कुडीच्या दारांत उबो आशिल्ल्या गजेंद्रान सोयऱ्यांक हात जोडून येवकार दिलो.

इतलें करता म्हणसर धीरून पुट्ट्ट करून बसपा कुडींत प्रवेश केलो. पयलो तो गजेंद्राक पांय पडलो. उपरांत दुर्ग्याक!

धीरूल्या ह्या वागण्यान गजेंद्र मात्सो प्रभावीत जालो. पूण दुर्ग्याक मात सगळ्यांचें वागणें अडेचेंशें दिसलें. तरी तें खोलायेंत वचपाचे

भानगडींत पडलें ना.

ताणें सोयऱ्यांक गजेंद्रा म्हऱ्यांत सोडलीं आनी तें भितर गेलें. तशें करपाक ताका मातय अडचणीचें दिसलें ना. कारण आपूण घरांतलें आटपून भायर येता म्हणसर आतेबायचें तोंड कशेंच बंद जावचें ना हाची दुर्ग्याक खात्री आशिल्ली.

न्हवरो येतकच व्हंकलेक नटोवन थटोवन भायर हाडपाचें काम दुर्ग्यान आपले भावजयेक सोंपयल्लें. पूण शीला आपली मामी सांगता ते प्रमाण नटपाक कशेंच तयार जायना. आदीं पसुनूच असल्या गजालींक ताचो विरोध आशिल्लो. तोंडाक रंग फासून, आपली कूड सजोवन सवंग कशें कोणाचे इत्से खातीर कोणाच्या म्हऱ्यांत उबें रावन, आपलें सौंदर्य तपासून घेवपाक तें आपलो अपमान मानतालें. ताकाच लागून न्हवरेकारांचें आगमन जाय म्हणसर आपले कुडींत आपले मामी वांगडा गणयत रावलें.

मात तें न्हवऱ्याक पळोवपाक उत्सूक आशिल्लें. तेंय आपल्याक दाखोवचे पयलीं. ताकाच लागून आपले कुडींतल्यान भायर येवन तें गच्चेर पासयो मारतालें. गाडयेच्या आवाजाची सुलूस घेतालें. असल्या वगतार ताका भांगरांशिंगरां आनी मोलादीक कपडे-लत्त्याचें कांयच पडूंक नाशिल्लें. आपल्या निजगुणांचेर ताचो पुराय विश्वास आशिल्लो. खंयचेय वगतार आनी कसलेय अवस्थेंत सादेंपण ताका पर्जळयत रावतालें.

आतां सकाळच्या णवांचो सुमार जाल्लो. दरवंट्या भायर एक गाडी उबी जाल्ली शीलाक दिसली. गाडी गिरेस्तकायेचें दर्शन घडयताली. तरी शीलाचेर तिचो इल्लोय प्रभाव पडलो ना. मात गाडयेंतल्यान कोणकोण भायर सरतात तें पळोवंक शीलाचें मन उत्सुकतायेन भरिल्लें.

एक एक करून गाडयेंतल्यान सगळीं मनशां भायर आयलीं आनी ड्रायव्हरान गाडयेचीं दारां धप्प करून बंद केलीं.

आतेबायक वळखुपाक शीलाक कळाव लागलो ना. ह्या आदींय आयिल्ली ती. ती कोणूय आसली तरी सोयरीगतीची कारभारीण आसा, ही गजाल शीलाक कळून चुकिल्ली. पूण हेर मनशां शीलाक अस्पश्ट

दिशिल्ल्यान अनवळखिशीं दिसतालीं. तीं स्पश्ट दिसचीं म्हूण शीला गच्चेवयल्या व्हरांड्याच्या एका खांब्या आड अशे तरेन उबें रावलें कीं ताका सगळीं मनशां स्पश्ट दिसचीं, पूण हेरांक तें दिसचें न्हय.

दुर्गें आता शीलाली तयारी खंय पावल्या ती पळोवपाक झडझडीत पावलां मारीत शीलाले कुडी दिकेन गेलें. थंय वचून पळय जाल्यार मामी–भाची अजून थंयच घुसपतात. दुर्ग्याक दिशिल्लें शीला सांगिल्ले ते प्रमाण न्हेसून बिसून तयार जाल्लें आसतलें. पूण पळय जाल्यार खंयचेकडे कांयच ना. शीला अजून लंकेची पार्वती जावन थंयचे थंयच घुसपता. निर्मल कपलार मिरयो घालून, गच्चेवयल्या मळबार नदर मारून रावलां. शीलाक ताणें खूब कितें सांगून पळेलें, पूण तें कांयच कानामनार घेना जाल्यार निर्मल तरी कितें करतलें? शीला हट्टाक पेटल्यार आपलें तें कशेंच सोडचें ना हाची पुराय खात्री निर्मलाक आशिल्ली. आवय–बापायपरस निर्मलूच शीलाक बरें वळखतालें.

''आगो बाय, कितें गो तूं! तीं भायर येवन बसल्यांत मगो. आनी तुमची हांगा कसलीच तयारी ना. कितें गो बाये हें, असल्यांनी लज काडटलीं मगो तुमी आमची!'' दुर्गें निर्मलाक पळोवन पिंजळ्ळें.

''म्हजेर राग काडूं नाका आं, आदींच सांगतां. हें सगळें तुजे धुवेक लागून जालां. केदोवेळ जालो, न्हेस गो, न्हेस गो म्हूण फाटीक लागलां हांव ताच्या. पूण ताणें कानामनार घेतल्यार मू? सगळे श्रृंगार भायर काडून मांडून दवरल्यात पळे. पूण हें तांकां हात लावपाचें सोडूच, नदर लेगीत तांचेर घालूंक तयार ना. आतां हांवें कितें करपाचें तें तूं सांग.'' निर्मलान आपलो नाइलाज व्यक्त केलो.

''कितें गो बाय हें, आता भायर वचून कशें तोंड दाखोवंक गो हांव तांकां!'' दुर्गें फणफणलें.

''चल मगे, हांव तयार आसां.'' शीलान हांसत्या तोंडान निर्मलाच्या चेऱ्यार नदर भोंवडायली.

''आंवय, पिशें बी लागुना मगो तुका? हे साडयेन न्हवऱ्यामुखार

उबें रावतलें तूं? भायर वचून आमगेल्या वावराड्यांचेर नदर मार. तांच्यो साडयो पळे कितल्यो उंची आसात त्यो!''

''उंची साडयो परिधान केल्यो म्हूण कोण नायक घराण्यांतलें शीला जावंचें ना गे!''

''आनी तुका कितें दिसता, तूं सादूया पोशेगान भायर गेल्यार न्हवरो तुका उच्च विचारांचें समजून तुजेकडे लग्न जातलो? जायत घडये तो तुजेकडे लग्न! पूण आतेबायचें कितें? ती रोकडीच नायक घराण्याच्या गिरेस्तकायेचेर आनी संस्कारांचेर पावतली. गिरेस्तकायेचें खंयी पावूं. नायक घराण्याच्या गिरेस्तकायेचो थाव घेवनूच आयल्यांत जातलीं तीं आमच्या दारांत. पूण संस्काराचें कितें? तुजी ही असली वागणूक आतेबायच्या दोळ्यांनी भरची ना, अशें दिसता गो बाय तुका? रोकडीच म्हणटली एक तर म्हाका रीत ना, ना जाल्यार धूव आवयक केर करिना. ती भायर वचून मेळत ताच्या कानाक लागतली आनी फुतफुतून सांगतली– 'हांगा दिसता तशें ना आं... मोटे घराक पोकळ वांशे' म्हणून म्हणटां हांव म्हज्या पुता. ह्या घराक सोबता तशें रितीन वाग!''

शीलाचें एक खाशेलेंपण आशिल्लें. समाजांत आनी आपल्या जिवितांतूय खूबशो वायट गजाली घडटात हाची ताका जाणविकाय आशिल्ली. आपणें तांचे आड लढचें, अशेंय ताका दिसतालें. पूण आवय–बापायच्या मत्ता आडूय वचप म्हळ्यार ताच्या जिवार येतालें. आपलो आवय–बापूय शाणो आसा, सुशिक्षीत आसा आनी सुसंस्कृतूय आसा हाची जाणविकाय शीलाक आशिल्ली. तरी कोणाच्याय तरी चेंपणांखाला तांकां नाइलाजान वावुरचें पडटा, हाचें शीलाक मनापासून दुख्ख भोगतालें.

दुर्याक दुख्खी पळोवन शीलाचें मन कळवळटालें. ताणें चिंतलें, आवय सांगता तें आयकल्यार संवसाराक बुडटी तर येवची ना. जावंदी तिच्या मना सारकें. ताणें आवयक उक्तेपणान सांगलें – ''चल, करतां हांव तूं सांगता तसो श्रृंगार. पंदरा–वीस मिनटांनीं येतां हांव भायर. सांग

तांकां भायर वचून कितेंय तरी कळावाचें निमित्त.''

हें आयकून दुर्ग्याच्या चेऱ्यार खिणांत पुनवेचो चंद्रिम उदेलो. ताचें तेजहीन मुखामळ खिणांत परजळ्ळें. ताणें आपले धुवेच्या पोल्याचो उमो घेतलो. खोशेन झडझडीत धेंपां मारीत तें इस्काद देंवन बसपाकुडींत आयलें.

बसपाकुडींत आतेबायलो तोंडापटो एकसारको फटफटत आशिल्लो. कोणाकूच तोंड उगडपाक संद नाशिल्ली थंय. गजेंद्राक लेगीत. तो बाबडो आतेबायच्या मुखांतल्यान धनेबाबाल्या घराण्याचो इतिहास आयकूंक गूंग जाल्लो. तसो ताणें तो आपल्या बापाय कडल्यान थोडो भोव आयकल्लो. पूण आता आतेबायन तो अशे तरेन विशद केल्लो की तो आयकून गजेंद्राक दिसलें की ह्याच थळाक दसून राविल्लें बरें!

ते भायर न्हवरो ताचे मुखार हाजीर आशिल्लो. शांत सभावाचो, राजबिंडो. गजेंद्राच्या दिश्टीन न्हवरो ताच्या घराब्याक फाव तसोच आशिल्लो. ताका दिसलें, हातचें सोडून पळत्याचे फाटीक लागल्यार पिशेपणां थारतलीं. ताणें मनांतल्या मनांत न्हवऱ्याक मान्यताय दिली.

हर्षभरीत जाल्लें दुर्गें आतां बसपाकुडींत पावतांच मात्शें गंभीर जालें. कांय घराण्यांत गंभीरताय हें गिरेस्तकायेचें लक्षण आसता. दुर्ग्यान स्वताचेर नियंत्रण हाडलें आनी नमळतायेन तें आतेबायच्या म्हऱ्यांत उबें रावलें.

''सगळें ज्युस्ताज्युस्त चल्लां मूं घरांत, व्हंकलेक भायर येवंक मात्सो कळाव जालो म्हूण म्हणटां बाये! कसलीय अडचण बी आसल्यार सांगल्यार जाता. परकेपण धरपाची गरज ना. कितें म्हणटा रे बाबा?'' आतेबायन न्हवऱ्याक प्रस्न केलो.

न्हवरो कांयच उलयलो ना. ताणें फक्त स्मित केलें.

''ना-ना, तशें कांय ना! व्हंकल तयार जाल्ली भायर येवपाक. इतल्यान जालें कितें? व्हंकलेचो पांय साडयेंत घुस्पलो. पडपाचेंच उरलें

बाय म्हजें. साडयेची संवय ना न्हय गे ताका!''

''हय गे बाये, आतांच्या चलयांचें तशेंच! सगळेकडे हाय-फाय. कितें जातलें ह्या फुडें आमचे भाशेचें आनी रीतीबातीचें देवाक खबर!''

''आमच्या शीलाचे बाबतींत मात हांव खात्री दितां, लग्न जावन घोवागेर वतकच तें साडयोच न्हेसतलें.''

''हय तर तशेंच जावंक जाय. घरंदाज बायलांचें लक्षण तें!'' आतेबायन दुर्ग्याक तेंको दिलो.

इतलें म्हणसर निर्मल शीलाक घेवन बसपाघरांत आयलें. निर्मलान ताका अशे तरेन सजयल्लें की पळयतल्याक श्रृंगारांत कसलोच उणाव दिसचो न्हय. एक पारंपारीक हिन्दू कुलीन व्हंकल तकली खाला घालून, हेवटेन-तेवटेन पळेनासतना कशी चलता, कशी लजता हाची शिकवण निर्मलान शीलाक थंयचे थंयच दिली. शीलानूय हां ना कूं करिनासतना सगळें शिकून घेतलें. हेत हो की आपले पसून कोणाचें मन दुखचें न्हय.

शीला पळोवंक आतां राजकन्या दिसतालें. राजकन्येचे ऐटीनच तें पावलां मारीत बसपाकुडींत गेलें. निर्मल ताका हाताक धरून खाशेले बसकेकडे घेवन गेलें. शीला बसल्या उपरांत निर्मलूय ताच्या शेजराक बसलें.

चडश्या लोकांगेर चड करून मध्यम लोकांल्या कुटुंबांत व्हंकल दाखोवणे वेळार व्हंकल च्या घेवन भायर येता. पूण हांगा तशें जालें ना. दुर्ग्याल्या आदेशा प्रमाणे एके वावराडेन च्या आनी फराळ हाडून सजयल्ले चौपायेर दवरलो.

सोयऱ्यांक च्या दिवपाचें कार्य मात शीला हस्तुकीं जालें.

च्याचो आक्त चालू आसतना, शीला आनी न्हवरो एकामेकांक चोरून पळोवपाचें काम करतालीं. न्हवरो व्हंकलेक पुराय वळखतालो. साडयेंत तें आदले परस खूब वेगळें दिसतालें खरें, पूण तें शीला आसा, हातूंत न्हवऱ्याक इल्लोय दुबाव नाशिल्लो.

पूण शीलाचें मन मात सूर्य प्रकाशा इतलें साफ आशिल्लें. आपले

आवय-बापायचे सांगणेन श्रृंगारीत केल्लो आपलो देह तें एका परपुरुशाक दाखोवंक भायर येवन बशिल्लें. आपल्याच हातांनीं आपलो देह सजोवन, आपल्या निर्जीवावस्थेंतल्या देहाचो बाजार मांडिल्लो ताणें. जी गजाल ताका मनापसून आवडनाशिल्ली, ती तें फक्त आवय-बापायचो मान राखूंक करतालें, हें उक्तें जाल्लें.

शीलाची पयली नदर न्हवऱ्याचेर पडली, तेन्ना तें मात्शें गोंदळ्ळें. ह्या तरणाट्याक आपणे खंयतरी पळेला, अशें ताचें मन ताका सांगूंक लागलें. पळेला खरो, पूण खंय पळेला हाची ताका याद जायना जाली. कॉलेजांतल्या खूबशा तरणाट्यांक तें स्पश्टपणान वळखतालें, पूण हो चेरो ताका अस्पश्टसो दोळ्यांकडे दिसतालो.

शीलान खूबशे चेरे दोळ्यांकडे हाडले पूण मुखावेल्या चेऱ्याकडे कोणाचोच जुळनाशिल्लो.

आता ताका धीरूची याद जाली. बारकायेन पळेल्या उपरांत धीरूचो चेरो ह्या चेऱ्याकडे मेळटाजुळटा सो दिसलो. पूण ह्या तरणाट्याकडे धीरूची तुळा करूंकूच शकनाशिल्लें शीला. मुखामळ हय-न्हयशें दिसलें म्हूण कितें जालें? अशे खूबशे लोक भेट्टात ह्या संवसारांत. तांचे चेरे आनी कुडीची मांडावळ एकशी दिसता, पूण प्रत्यक्षांत ते वेगळेच आसतात. हांगाय तशेंच कित्याक घडूं नये?

एका वगतार शीलाच्या संपर्कांत आयिल्लो धीरू गूंड आशिल्लो. ताचें पुराय वर्तन राक्षसी आशिल्लें. तो पळोवंक क्रूर दिसतालो. वागप रानवटी आशिल्लें. सभाव तामसी. खिणा-खिणांत बदलपी. भेसूय विचित्र. भेसावेल्यान तो सभ्य घराण्यांतलो भुरगो असो दिसच नाशिल्लो. ताच्या वागण्यावेल्यान तो ह्या घरांत चुकून लेगीत पांय दवरपाची शक्यताय नाशिल्ली. मागीर हो तरणाटो कोण? ताका धीरूचें सारकें कशें मारता?

आपूण एका व्हड घराण्यांतलो भुरगो, ही गजाल धीरूनच शीलाक सांगिल्ली. पूण शीलाक मात तो व्हड केन्नाच दिसलो ना. धीरू आपलें व्हडपण गिरेस्तकायेंत पळेतालो. आनी शीला चारित्र्यसंपन्नाक व्हड

समजतालें.

म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार शीला सामकारा न्हवऱ्या रुपान बशिल्ल्या तरणाट्याक धीरुचें सारकें मारतालें. पूण शीलाचें मन ताका खंयचेच बाबतींत धीरू मानूंक तयार नाशिल्लें. कारण ह्या तरणाट्याच्या मुखामळावेलो एक भास सोडलो जाल्यार धीरुचो आनी कसलोच गूण ह्या तरणाट्यांत दिसून येनाशिल्लो. हो तरणाटो सोज्वळ आशिल्लो. स्मित ताचें मुखामळ सतत परजळून सोडटालें. ताच्या पोशेगावेल्यान तो कुलीन घराण्यांतलो दिसतालो. उलोवप थोडेंच. तेंय हय-ना इतलेंच मर्यादीत.

शीलाक हो तरनाटो मेकळेपणान सडसडीत उलयल्लो जाय आशिल्लो. ताचेवेल्यान तें धीरुच्या सभावाचो कस लावंक शकतालें. पूण तरणाट्याक उलोवपाची संदच मेळनाशिल्ली. ती संद त्या तरणाट्याक मेळची अशें शीलाक मनापासून दिसतालें. आधुनीक समाजांत असली मेकळीक व्हंकल/न्हवऱ्याक मेळटा. हांगाय ती आपल्याक मेळची, अशें शीलाक दिसतालें.

शीलान न्हवऱ्याचें तन नियाळ्ळें. ताका आतां ताच्या मनाचो थाव घेवंक जाय आशिल्लो. तशें करपाक व्हंकल-न्हवऱ्याक एकांताची गरज आशिल्ली.

शीलाक दिसतालें, आपल्याक एकांतांत व्हरपाचो फुडाकार न्हवऱ्यान घेवचो. घरा सामकारा फळां फुलांनी भरिल्ली, रुखावळ निर्मीत सावळीयुक्त अशी विशाळ बाग पसरिल्ली आसा. आपल्याक घेवन थंय वचपाची न्हवऱ्यान मागणी करची. मजा करपाक न्हय, तर फक्त एकामेकाचीं मनां वळखून घेवपा खातीर.

ही संद निदान आतेबायन तरी मेळोवन दिवपाची. पूण आतेबाय उसंत धरिनासतना एक सारकी बडबडत राविल्ली. तिचे बडबडीन थंय कोणाकूच उलोवपाची संद मेळनाशिल्ली.

व्हंकल-न्हवरो सोडून, सगळ्यांचे कान-दोळे आतेबायचे

बडबडीचेर केंद्रीत जाल्ले आसतना, न्हवऱ्या-व्हंकलेचें एकमेकाकडें चोरयां पळोवप चालूच आशिल्लें. अशें घडटा आसतना न्हवऱ्याच्या मनांत भंय तर व्हंकलेच्या मनांतली उत्सुकताय एकमेकाक जाणवताली.

न्हवऱ्याक भंय हे खातीर दिसतालो की आपणें रचिल्लें कारस्थान उक्ताडार पडल्यार आपूण शेणटलों. अशें घडचे आदीं, कितेंय करून व्हंकलेच्या आवय-बापायक पटोवन लग्नाचें उतर जालें म्हणटकीर आपूण सुटलों, मागीर व्हंकल आसा आपूण आसां.

आनी शीलाचें कितें? ताच्या मनांत तसलें काळेंबेरें कांयच नाशिल्लें. ताका फकत जाणून घेवपाचें आसलें, की येद्‌या व्हडल्या घराण्यांतलो, आधुनीक युगांतलो तरणाटो इतलो सुसेगाद आनी बावळट कसो? तो खरोच तसो, काय आपल्याक बनोवपाची माण्णी करता?

ताचें बरें आसा. वगतार खरें कितें तें कळून येतलेंच. पूण आतेबायचो अवतार पळोवन मात शीला सामकें गोंदळून गेलें. ताका दिसलें, आतेबायची बडबड आपल्या आवय-बापायचेर जादू बी करची ना मू? दोगांय सादींभोळीं. अणभवहीण. तेन्ना वेळार सादूर राविल्लें बरें. अशें म्हणून शीलान विचार करपाचें सोडून दिलें.

कसल्याय कार्याक मर्यादा ही आसताच. ते प्रमाण आतेबायन धनेबाबाल्या कुटुंबाचें, न्हवऱ्याचें आनी तांचे संपत्तेचें गुणगायन सोंपयलें.

''गजेंद्रबाब, हांवें म्हजें काम प्रामाणीकपणान केलें. न्हवरेकाराली पुराय म्हायती तुमच्या मुखार ओतली. आनी कितेंय विचारपाचें आसल्यार विचारात! फाटल्यान मागीर म्हणूं नाका, आतेबायन हें लिपयलें आनी तें लिपयलें. आनी इतल्यान तुमचें समाधान जालें जाल्यार तेंय सांगात, म्हणचे दोनूय पक्ष उतर पक्कें करूंक मेकळे.''चतुर आतेबाय आंग फाफडून मेकळी!

''तें जालें आतेबाय, पूण न्हवऱ्यालीं दोन गोड उतरां आमच्या कानार पडल्यार बरीं आशिल्लीं.'' दुर्ग्यान आपल्या घोवा म्हऱ्यांत उबें रावन आपली इत्सा उक्तायली.

“आमचो न्हवरो मात्सो मितभाशी. जाण्ट्यां मुखार मात्सो उलोवंक लजता. चलयां पासून तर सामको पयस पयस रावता. तरी भौसांमुखार उलोवपाक ताचें तोंड धरपी ह्या वाठारांत आनी कोण मेळचो ना आं, तेंय सांगतां तुमकां. आतां तुमकां तो सामको बिलू दिसता. पूण कॉलेजांत शिकतासतना उलोवपां करून माचयो गाजयल्यात ताणें. तुमी ताच्या घरा वचून पळयात, इनामांची एक व्हडली कूड भरिल्ली दिसतली तुमकां.”

“तरी हांव कितें म्हणटां, आमच्या समाधाना खातीर ताणें व्हंकलेकडें दोन उतरां उलोवंक कसली हरकत आसा? तांकां इत्सा आसल्यार, भायर गार्डनांत एक पासय मारून येवं येता तांच्यांनी.” दुर्ग्यान मदींच तोडून गजेंद्राचेर नदर मारली.

“बऽरें! आमची कांयच हरकत ना. चल रे बाबा. वच ताका घेवन गार्डनांत. मागीर अशें म्हणूं नाका, आमकां उलोवपाक मात्तूय संद दिलीना. चल, वता मरे?” आतेबायन न्हवऱ्याक प्रस्न केलो. न्हवऱ्यान लजिल्लेभशेन करून, तकली हालोवन न्हयकार व्यक्त केलो.

“तशें जाल्यार बरें आसा. आता फुडलीं उलोवणीं उलोवपाचीं.” – आतेबाय.

“ताचे पयलीं व्हंकल न्हवऱ्याक पसंत पडली काय ना, तें कळूं नाका?” दुर्ग्यान प्रस्नार्थक नदरेन आतेबायक पळयलें.

“व्हंकल न्हवऱ्याक कित्याक पसंत पडची ना! बावनकशी भांगर कोण केन्ना न्हयकारता व्हय?” आतेबायन आपली पसंती दाखयली.

“व्हंकलेक न्हवरो पसंत पडला काय ना, तें कळयतात आमी तुमकां फोनार!” – दुर्गे

“सगळें जाल्ल्यांत जमा आसा. तरी विचार करपाक आमकां थोडोवेळ जायच. बेटीच उकल्ली जीब लायली ताळ्याक म्हळ्यार जाता?” व्हंकले बापायन आपलें मत उक्तायलें. अर्थांत तें अपेक्षीतूच आशिल्लें.

“म्हणटकच धीरूबाबा या मरे आमी?”

आतेबायच्च्या तोंडांतल्यान 'धीरूबाबा' हें उतर भायर पडलें मात, शीलाच्च्या काळजांत धस्स जालें. तें दचकलें तें पळोवन आतेबाय सामकी काचाबूल जाली. धीरूचो चेरो खिणांत काळो पडलो. ताणें रागान आतेबायकडेन पळेलें. आतेबाय आकांतली. तिची जीब भायर येवन दोनूय ओंठांमदें अडकली. येदो वेळ सांबाळून दवरिल्लें रहस्य खिणांत उक्तें पडलें. धीरुल्या चेऱ्यावेलें परिवर्तन पळोवन आतेबायच्या सर्वांगार घसघशीत घाम सुटलो.

आतेबाय, धीरू आनी शीला हांचेमदें अकस्मात जाल्लो बदल पळोवन दुर्गें आनी गजेंद्र मात सामकीं गोंदळून गेलीं.

शीलाचो दुबाव आता पयस जाल्लो. येदो वेळ शांतपणान बसून आशिल्लें शीला आता न्हिदेंतल्यान उठिल्लेवरी सट्ट करून जागें जालें. येदो वेळ ताच्या मनांत दाटून आशिल्लीं काळीं कुपां खिणांत कापशेलीं आनी एका वाऱ्याच्या झोक्यान सावरीचो कापूस आपलो निजाचो रंग बदलून उडचो, तशीं तीं खंयचे खंय उडून नाच्च जालीं.

धीरून आतेबायक हाताक धरून आपल्या आड कारस्थान केलां, हाची पक्की खात्री आता शीलाक पटली. एका जातीवंत कलाकारावरी सुडाचें नाटक वठयतालो धीरू. पूण आता ताका आपलें खरेलें रूप शीलाक दाखोवचेंच पडलें. येदो वेळ सज्जनाचें मायावी रूप घेवन बशिल्लो धीरू आता शीलाक अक्राळ विक्राळ राकेस भासूंक लागलो. तरी शीलान धीर सोडलो ना. आपल्या आवय-बापायक तशींच गोंदळिल्ले स्थितींत सोडून ताणें त्या राकेसाक वाट करून दिली.

आपल्या वांगड्यां वांगडा भायर सरतना धीरून शीलाचेर एक नदर मारली. ती सुचीत करताली की आता तूं सुटलें, फुडें तुजी धडगत ना. शीलाक प्रथमेश आवडटा हाची जाणविकाय धीरूक जाल्ली. धीरू हेंय जाणा आशिल्लो, की शीला आपल्याक सोंपेपणान कशेंच वश जावंचें ना. ताका आपणायतलो जाल्यार वांकड्यातिकड्या मार्गाचोच अवलंब करपाची गरज आसा.

ताणें चिंतलें, आपल्याकडें सगळें आसा. गिरेस्तकाय आसा. नावलोकीक आसा. नायक घराण्यांतले तुळेन आपल्याक कितेंच उणें ना. हां, शीलाचे दिश्टीन आपूण गूंड आसां, हो एकूच दोश पयस केल्यार शीला आपल्याक न्हयकारपाचें धाडस करचें ना. पूण हो दोश पयस जातलो कसो? जाल्ल्याचो सभाव मेले बगर वता? पूण प्रयत्न करपाक कसली हरकत आसा? थोडो वगत लागतलो, लागूं दी!

ताणें चिंतलें. हें काम एकल्यादुकल्याचें न्हय. ते पासत एक पंगड निर्माण करचो पडटलो. पंगडांत वायट-बऱ्या मनशांचो आसपाव करून घेवचो पडटलो.

धीरून आपले येवजणे प्रमाण पंगड तयार केलो. पंगडांत कांय गूंड आनी कांय बऱ्या तरणाट्यांचो आसपाव करून घेतलो. गुंडांचो उपेग गरज पडल्यार दहशत निर्माण करपा खातीर आनी ताणें सज्जन हे खातीर लागीं केले की तांच्या अनुकरणान आपूण सुदारचो. आपले सज्जनतायेचो प्रभाव शीलाचेर आनी ताच्या आवय-बापायचेर पडचो.

आतेबायक पंगडाची मुखेली केली.

आतां कोणूय म्हणटलो, धीरूलें येदें व्हडलें कुटूंब आसतना, ताणें आतेबायकूच फुडें कित्याक काडली?

ताकाय कारण आसा. तीं दोगांय एकमेकाक भायरभितरल्यान वळखतालीं. दोगां एकमेकांचीं कुकर्मा पोटांत घालतालीं. शिवाय तांचे इतले हुशार वांगडी तांच्या कुटुंबांत आनी नाशिल्ले. समगुणी आशिल्ल्या कारणान, कसलेय बाबतींत गुपीत कारवायो करपाक तांचो हात धरूंक कोणूच शकनासलो.

आतेबायचो आनीक एक खाशेलो गूण आशिल्लो. आतेबाय कितलीय सुवार्थी आसली तरी धनेबाबाल्या कुटुंबाचें बरें मागपी आसली ती. धीरू दुर्गुणाची खाण जावन आसा, ताका लागून खंयच्याच कुलीन आनी प्रतिश्ठीत घराब्याकडे ताची सोयरीक जुळत, अशी कोणूच खात्री दिवंक शकनासलो. ताकाच लागून आतेबायन चड भर घेतिल्ली धीरुल्या

सोयरीगतीची. जमता जाल्यार जमूं दी. मागीरचें मागीर पळोवया. सुदारतलो लग्न जातकच. बायल हुशार आसा, हाडटली जाग्यार, हे जागतीक आशेन नेटान वावुरताली आतेबाय. पूण काम घडटा घडटा म्हळ्यार खिणांत इबाडलें, अशे तरेन की धीरूची सावळी लेगीत शीलाचेर पडल्यार ती तिरस्करणीय थारची.

:३८:

कांय गजाली कित्याचोच थांगपत्तो लागनासतना अकस्मात घडटात. नायक जोडप्याचे बाबतींतय तशेंच घडलें. आतेबायन आपल्या वाक्चातुर्यान भोळ्या नायक जोडप्याचेर आपली खाशेली भुरळ घाली. धीरुल्या अभिनयान तर गजेंद्रालें मन पुराय नासलें, तरी खूबशें धीरूच्या फावोरार जाल्लें. ताचो मितभाशी सभाव, देखणो चेरो, प्रतिश्ठीत घराबो, धनसंपन्नताय बी धीरुल्या सगळ्याच बाबींनी गजेंद्राचेर प्रभाव घाल्लो. प्रभावीत गजेंद्राक खात्रीन दिसतालें की हो तरणाटो आपले धुवेक फाव तसोच आसा. तेन्ना चड आडेवेडे घेनासतना लग्नाची मागणी सा करपाक कसलीच हरकत ना अशें ताका दिसलें!

पूण दुर्ग्यालें मत मात त्या तरणाट्या बाबतींत तितलेंशें बरें नाशिल्लें. भायल्यान बरे दिसपी, शांत सभावाचे सगळेच चड करून तरणाटे - शांत आसतातच अशें नासता. कांय लोकांचे खावपाचे दांत वेगळे आनी दाखोवपाचे वेगळे आसूंक शकतात. तेन्ना धीरुचें हें वागणें नाटकूय आसूंक शकता. ताका लागून आपले एकुलते एक धुवेचे सोयरीगतीचे बाबतींत चड खोलायेन वचपाची गरज आसा अशें दुर्ग्याक दिसतालें.

आनी एक गजाल दुर्ग्याच्या मनाक खटकताली. आतेबाय सुर्वेक सावन धनेबाबाल्या घराब्याची तुस्त करीत आशिल्ली. दुर्ग्याक ही तुस्त गरजे भायली दिसताली. तातूंत खरेपणापरस खोटायूच चड दिसताली दुर्ग्याक. ते भायर आतेबायच्या तोंडांतल्यान चुकूनशें भायर पडिल्लें नांव आयकून धीरूक बशिल्लो धक्को, उपरांत भायर सरतना धीरून शीलाचेर

मारिल्लो खलनायकी कटाक्ष, ह्यो सगळ्यो गजाली दुर्ग्याचे नदरेंतल्यान चुकूंक नाशिल्ल्यो.

सगळ्यांत म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार शीला आदले परस चडच अस्वस्थ जाल्लें. शीलाची ही अस्वस्थाय पळोवन दुर्गे चडच बेजार जालें. असले स्थितींत तें चड वावरूंक शकनासलें. ताका दिसलें, शीलाच्या मनांत कितें आसा तें समजून घेतल्यार बरें.

तें आतां इल्लें चडच उतावीळ जालें. आवयचें मन तें! दुर्गे झडझडीत पावलां मारीत शीलाले कुडींत गेलें. पळे जाल्यार शीला पलंगार पडून बुळ्बुळू रडटा.

दुर्ग्यान ताका तशेंच रडूंक दिलें. रडल्यार मनांतली काजळी धुवन वता, अणभवी दुर्ग्याक हाची कल्पना आशिल्ली. दुर्ग्यान ताका उठयलें ना. जाग करिनासतना फाटल्या पांयांनी भायर आयलें.

शीला रडून रडून कितलो वेळ रडटलें! ताचो मर्यादीत दुखांसांठो सोंपलो. तरी ताणें पलंग सोडलो ना. ताच्या विचारचक्राची गती इल्ली इल्ली फुडें सरकूंक लागली.

ताणें धीरूचे बाबतींत केल्ली चूक आता ताच्या लक्षांत आयली. ताका दिशिल्लें, धीरू आपल्याक थोड्या दिसांनीं विसरून वतलो. ताचे कॉलेजीचे दीस सोंपिल्ल्यान तो आपलो नाद सोडून आपले वाटेक वच्चो ना, अशें शीलाक दिसतालें. पूण जालें भलतेंच. धीरून आतेबायच्या आदारान शीला आड व्हडलें कारस्थान रचलें आनी ताणें शीलाल्या घरा मेरेन मजल मारली.

आतेबायच्या तोंडांतल्यान चुकून धीरूचें नांव भायर पडूंक नाशिल्लें जाल्यार धीरुलें कारस्थान फुडें चालूच उरपाचें. आता ताचो तात्पुरतो अंत जाल्लो.

शीलाच्या माथ्यावेलें वजें मात ल्हव जावंनाशिल्लें. धीरुल्या कारस्थानाचें चेंपण शीलाक आतंकीत करतालें. ते भायर आवय-बापायची घुरी केन्ना पडत हाचो नेम नाशिल्लो. दुर्गे तर शीलाकडे संवाद

सादपाक भायरभितर येतालें.

इतल्यान दुर्ग्यान आपले कुडींतलो लायटी उजवाड पळेलो. कुडींत ताका गजेंद्र आशिल्ल्याची जाणविकाय जाली. तें तशेंच कुडींत धांवलें.

''कितें जालां गो, आकांतलां शें? वाग फाटीक लागिल्लेवरी धांवता हांगा-थंय?'' गजेंद्रान उत्सुकतायेन दुर्ग्याक प्रस्न केलो.

''हांगा थंय कित्याक धावूं? तुकाच सोदतालें हांव.'' दुर्ग्यान शांतपणान जाप दिली.

''म्हाका सोदपाक धांवपळ कित्याक करूंक जाय गो तुका? हांव तर हांगाच आसां. तें आसूं. आमचें बाय कितें म्हणटा, मानवलो मगो ताका न्हवरो?'' गजेंद्रान उत्सुकतायेन प्रस्न केलो.

''म्हाका दिसना ताका तो मानवला जायत म्हणून. न्हवरो पळोवन गेलो तेन्ना सावन तोंडार काळोख घाला.'' दुर्ग्यान आपली चिंता व्यक्त केली.

''तोंडार काळोख घालीसारकें कितें घडलां तर! म्हाका जाल्यार न्हवऱ्यांत कसलीच खोटाय दिसलीना. सगळेच बाबतींत आमच्या घराण्याक सोबता तसोच आसा. आता व्हंकलेक न्हवरो मानवना जाल्यार कारणासयत उलोवन दाखोवं नाका? आमच्या मुखार यो आनी सडसडीत उलय म्हूण सांग ताका. खंय आसा तें?''

''आसतलें आपले कुडींत.''

''आपय ताका.''

''आपोवंक कित्याक जाय. हें पळयात आयलें.'' दुर्ग्यान म्हळें. भासाभास आयकून शीला संथ पावलांनीं तांच्या म्हऱ्यांत येवन उबें जालें. ताका पळेनाफुडें गजेंद्रांतलें वात्सल्य जागें जालें. ताणें ताच्या म्हऱ्यांत येवन ताच्या केंसांवेल्यान हात भोंवडायलो. बापायच्या मायेचो हस्तस्पर्श जायनाफुडें शीलाचे दोळे पाझरले. तें अचळय बापायचे वेंगेंत गेलें. गजेंद्रान ताका तशेंच व्हरून बाज्जेर बसयलें.

दुर्गेय शीलाचे कुशीक वचून बसलें. आवय-बापायचे उबेंत

शीलाक पयलेच खेप वेगळेचाराचो भास जालो. अर्थात मनाचे खेळ आशिल्ले ते. लग्न जाल्या उपरांत हें घर, घरांतलीं मनशां, हो वाठार सगळो आपल्याक पयस जातलो, हे विचार लग्न जावपी चलयेक सबावीक आसतात. शीलाच्याय मनांत ते विचार आता घोळूंक लागिल्ले.

''बाय, तुका न्हवरो पसंत आसा मगो?'' गजेंद्रान शीलाक थंडसाणेन प्रस्न केलो आनी दुर्गो कान लावन उत्सुकतायेन जापेची प्रतिक्षा करूंक लागलें. गजेंद्राक दिसलें, आपली धूव विचारिल्ल्या प्रस्नाक फाव तशी जाप दिना. लजेचे भाव लेगीत चेऱ्यार झळकनात. दिसता तें चेऱ्यावेलें निर्शेवणें. शीला तोंड उगडपाक अनमनता तें पळोवन, गजेंद्रान ताच्या केंसांचेर मायेन हात भोंवडायलो आनी थंडसाणेन म्हळें - ''बाय, तुज्या मनांतलें सडसडीत उलोवन दाखय गो आमकां. मानवलो मगो तुका तो!''

शीलाक दिसलें, खिणाक ना म्हूण सांगून मेकळें जावचें. पूण ताणें तशें केलें ना. ताका बापायचो अनादर जाल्लो नाका आशिल्लो. एकदां न्हयकार दिलो जाल्यार, आपलो बापूय ताचें स्पश्टीकरण मागले बगर कसोच रावचो ना. आनी शीला कसलें स्पश्टीकरण दितलें ताका? कसलो उणाव आशिल्लो न्हवऱ्यांत. गजेंद्रान तर ताका म्हऱ्यांत बसून वयर-सकयल पारखिल्लो. गजेंद्राक तो खंयचेच बाबतींत वायट असो दिसलो ना. तांचें घराणेंय नायका तोडीचेंच आशिल्लें. अशें आसतना शीला खंयचे कारणान न्हवऱ्याक न्हयकारतलें?

हां, एक गजाल आशिल्ली. न्हवरो भायल्यान सगळेच बाबतींत बरो दिसतालो खरो. पूण ताचो अंतरंग कसो आशिल्लो कोणाक खबर? ताणें तर मौनव्रत धारण केल्लें. कोणाकडे तो तोंडभर उलयलो ना. व्हंकलेक तर न्हवऱ्याकडे उलोवपाची फाव ती संद मेळ्ळीच ना.

बस्स! ह्या एका मुद्याचेर शीला आपल्या बापायकडे भासाभास आनी घासघीस करूंक शकतालें. पूण ताणें तशें कांयच केलें ना. तें मोन्यानी उठून थंयच्यान भायर गेलें, कोणाकडे कांयच उलयनासतना.

कित्याक गेलें तें भायर मोन्यानी? कित्याक सांगलेंना ताणें आपल्या

बापायक, आपूण त्या न्हवऱ्याकडे लग्न जायना. कारण आपूण ताका वळखतां. आपले बराबर तो कॉलेजींत शिकतालो. ताचें वर्तन बरें ना. तो एक व्हडलो गांवगूंड जावन आसा.

पूण ही गजाल शीलान आपल्या घरच्यांक हे आदींच सांगूंक जाय आशिल्ली. शीलान ती मुजरत सांगली ना. कारण ताका ती गजाल सादी दिसली. हे सादे गजालीक लागून चड करून आपले आवयचे तकलेंत-तणावाचें वादळ उप्रासतलें, अशें ताचें मन ताका सांगतालें.

पूण घडपाचें आसता तें केन्नाच चुकना. धीरेंद्र आतां ताचे फ़ाटीक हात धुवन लागतलो म्हणपाचे आसार आता शीलाक दिसूंक लागिल्ले.

दुसरी गजाल शीलाच्या लक्षांत आयिल्ली की गजेंद्र धीरुचेर प्रसन्न जाला. तो धीरूक आपलो जावंय करून घेवपाचो हट्ट सोंपेपणान सोडचो ना. तेन्ना शीलान हें लग्नाचें प्रकरण आपल्या नियंत्रणा खाला हाडपाचें थारायलें.

आपल्या आवय-बापायक शांत करपा खातीर सद्या तरी ताणें मौन धारण केलें.

:३९:

प्रथमेशाचें पुराय नांव आशिल्लें प्रथमेश रामनाथ सावयकार. गांवान सावयचो. पूण रावतालो मडगांवां. खास कॉलेज शिकपाखातीर.

प्रथमेश च्यारी समाजांतलो भुरगो, पूण तो आपलें आडनांव लायतालो सावयकार. ताकाय कारण आशिल्लें. ताच्या समाजांतले हेर लोक आपलें नांव च्यारी लायताले. पूण प्रथमेशाक तें नाका आशिल्लें. तें च्यारी आडनांव ताका उणेपणाचें दिसनाशिल्लें. पूण तें जातिवाचक आशिल्लें. प्रथमेश आपली वळख समाजाक मेस्त, च्यारी, अशा एका विशिश्ट जातींतल्यान दिवंक सोदी नाशिल्लो.

खरें म्हळ्यार, प्रथमेश ज्या समाजांत जल्मलो, तो समाज स्वताक उच्चवर्णीय मानता. सगळ्या जातीं परस आपली जात व्हड, विश्वकर्मा

मनुमय ब्राह्मण मानतात ते स्वताक! पूण प्रथमेशाक आपूण खंयचे जातींत आनी धर्मांत जल्मला हाचें कांयच पडूंक नाशिल्लें. तो एकच धर्म मानतालो आनी तो म्हळ्यार मानवधर्म.

दुसरी गजाल म्हळ्यार तो कसो आसा, कोण आसा, हाचे परस फुडें कोण जावंक सोदता, हाका चड म्हत्व दितालो.

सुंदर-देखणो तर तो आशिल्लोच. सैमान ताका रंग-रूप एका वयल्या पावंड्यावेल्या नटाक फावता तशें दिल्लें. आंगलोट तर ताचो सामको धोंगा-पोंगां विरयत आसलो. पळयतल्याक ताका एक सारकें पळेत रावचेंशें दिसतालें.

मनीस भायल्यान कसो दिसता, हाका व्हडलें म्हत्व नासता. ताचे अंतरंग आनी अंतरगत बाबी तपासून पळोवपाची चड गरज आसता.

खूबशा लोकांचें बाह्यांग आनी बाह्यरूप फसवें आसता.

प्रथमेशाबाबतींत मात तशें नाशिल्लें. तो सगलेच बाबतींत उजू आशिल्लो, चोख आशिल्लो.

सुशील तर तो आशिल्लोच. ते भायर प्रतिभावंतूय आशिल्लो. कश्टी आनी धाडशीय आशिल्लो. नमळ आनी मितभाशीय आशिल्लो. शांतप्रिय आशिल्लो. ल्हान-व्हडांचो मान राखपी आशिल्लो.

मुखेल गजाल म्हळ्यार लोकांचे दिश्टीन तो बामण नाशिल्लो. पूण बामणांत जे-जे बरे गूण आसूंक फाव ते सगळे गूण प्रथमेशांत पुरायेन भरून आशिल्ले. शीलाक हाची पुराय कल्पना आशिल्ली. ह्याच गुणांक लागून शीलाचें मन प्रथमेशाकडे ओडटालें. पूण कुलमर्यादा आड येताली.

पूण शीलान आता कुलमर्यादा, जात-धर्म, धन-संपत ह्या सगळ्या गजालींकडे आडनदर करून, आपलें मन फक्त प्रथमेशाचेर केंद्रीत केलें. प्रथमेशच ताका पुराय संरक्षण दिवंक शकता, हाची खात्री जाल्ली.

पूण प्रथमेश खंय आसा? कितले दीस जाले. ताचो तर पत्तोच ना. हाचे आदीं शीलाकडे ताचीं उलोवणीं जाल्लीं. शीला ताचेर मोग करता हाची जाणविकायूय ताका करून दिल्ली. पूण प्रथमेशान तें कानामनार

घेतलें ना. ताचो हेत मागीर तो कितेंय आसूं.

शीलाचें मन आता आपले भितरच उलोवंक लागलें, 'प्रथमेश आता म्हाका खऱ्यांनीच विसरलो काय? ना जाल्यार तो पयस-पयस कित्याक रावता? एकूय दीस कित्याक आयलोना तो म्हाका मेळूंक?'

'बरें तो ना तो ना, सुमनूय हालीं म्हजेपसून पयस-पयस रावता. तांकां दोगांकय आतां म्हजी इल्लीय ओड उरूंक ना. तांची पूण कसली चूक आसा? हांवच तांचेपसून पयस रावलां. जाणूनबुजून न्हय, तर कळटां ना कळटां चूक घडली खरी. आता ती म्हाकाच निस्तारूंक जाय. पयलीं हांव सुमनाकडें वतां. म्हजें दुख्ख ताच्या मुखार नव्यान मांडटां. प्रथमेशाकय जागोवपाचें काम ताकाच करूंक लायतां. कारण शेकीं म्हाका तांचोच आदार!'

असो विचार करून शीला आपूण जावन सुमनाक मेळूंक गेलें.

शाराभायर पयस अशें एक मळ आशिल्लें. मळाच्या मदेंच एक विशाळ वडा झाड आशिल्लें. वडामुंदांत एकाद्रो मनीस उबो रावून, ताणें मळाकडेर नदर मारल्यार, कडेर उबे आशिल्ले पाचवेचार उंच रूख लेगीत आपलें अस्तित्व उत्केपणान न्हयकारताले. ताचे फावटी एका फिशाल चिताऱ्यान, आपल्या जाडेल्या पिशोलान काळ्या - पाचव्या रंगाची रेग सरभोंवतणीं मारिल्ल्याचो फक्त भास जातालो. मळ इतलें विश्तीर्ण आनी भव्य आशिल्लें, की ताची कड हुपून वडामुंदांत वचून सावळेचो उपभोग घेवपाचें धाडस कोणूच करिनासलो. धाडसी चोर आनी बेबद्यांच्यो पिकनिको मात त्या वडामुंदांत जाताल्यो. अशें दिसतालें की हें मळ आनी वडाची रचणूक चोरां खातीर केल्या. ताका लागून हें मळ गोरवां चरपाक फाव तशें आसुनूय गोरवां आनी राखणे हांगा केन्नाच फिरकलेनांत.

येताले ते चोरांचे सोदीक पुलीस. गांवांनी ना तर शारांनीं व्हडल्यो चोरयो जाल्यो जाल्यार पुलीस थेट वडामुंदांत येताले.

केन्ना केन्नाय लामाणी चोंब्यानीं येताले आनी सोऱ्याच्यो रिकाम्यो बाटल्यो घेवन वताले. पूण ह्या दिसांनीं तांचें हांगा येवप-वचप बंद जाल्लें.

कारण हांगा आता दिसांतल्यान एकदां तरी धीरू आनी ताच्या वांगड्यांची बसका जाताली. धीरूच्या भयान हांगा आता पुलीस लेगीत येवंक धजनासले. ताका लागून, हांगाचें राज्य फक्त आनी फक्त धीरूचें आशिल्लें.

सोरोप, सुणो आनी मनीस ह्या तीन प्राण्यांत एक समान गूण दिसून येता आनी तो म्हळ्यार डूख धरून रावप. ह्या कामांत मनशाचो हात कोणाच्यान धरूं नजो.

धीरुलें गुपीत फुटलें, तेन्ना खरें म्हळ्यार ताणें शीलापसून चार हात पयस रावंक जाय आशिल्लें. तातूंतच ताचें शाणेंपण आशिल्लें. पूण धीरु शीलाचो नाद सोडूंक तयार नाशिल्लो. शीला आपल्याक खंयचेय परिस्थितींत लागीं धरचें ना, हाची पुराय जाणविकाय धीरुक जाल्ली. ताका लागून शीला आपल्याक मेळना जाल्यार, आपूण ताका कोणाचेंच जावंक दिवचो ना. सुकोवन-सुकोवन, झुरोवन-झुरोवन मरणा देगेर व्हरून सोडटलों.

आतां तें वयार आसा. ताजें तट्टटीत आसा. केन्ना मेरेन उरतलें अशें? ताचे बापायची गिरेस्तकाय ताची जवानी, ताचें तरणेंपण तिगोवंक शकतली?

आयज फुलिल्लें टवटवीत फूल फाल्यां बावताच. तें ताजें दवरपाची शकत कोणाच्याच हातांत नासता. एकदां फूल बावलें आनी सुकलें म्हणटकच ताकतवान सत्ताधीश ताका आपल्या पांयांनी गुड्डयता. कसलोच भक्तिभाव मनांत हाडिनासतना.

त्या गंधविरयत बावक्या फुलाची लायकी तीच आसता.

हांव सत्ताधीश, मनांत हाडल्यार म्हज्यान कितेंय करूं येता. दुडवांच्या फोर्सान शीलाक आनी ताच्या बापायक म्हज्यान आशिल्ल्याचो नाशिल्लो केन्नाय करून सोडूं येता.

शीलान म्हजे शेंपडेर पांय दवरला. ताणें म्हजो अपमान केला. ह्या अपमानाचो सूड घेतले बगर हांव ओगी कसोच बसचों ना.

धीरेंद्राच्या मनांत खतखत्तालें तें ताणें मनांतल्या मनांत उलोवन मेकळें केलें आनी नेटान फुडल्या कामाक लागलो.

:४०:

'सबसे बडा रुपय्या रे भैय्या सबसे बडा रुपय्या'.

जाचेकडेन पयशे नांत तो असलेंच गीत गायतलो. ताका ह्या संवसारांत पयशांशिवाय व्हडलें कितेंच दिसना. पयशांच्या उणावाक लागूनच समाजांत चोर-डाकू जल्माक येतात आनी हेच चोर-डाकू सरभोंवतणी आतंक पसरायतात. एकदां ते आतंकवादी जाले की तांकां मागीर सुदारप सोंपें नासता.

हाच्या उरफाटें कांयजाणांकडे हिसपा भायर धनसंपत आसता. पूण ते सुखी आसतात व्हय?

देखीक, गजेंद्राचीच गजाल घेवंया. ताचेकडे गिरेस्तकाय हिसपा भायर भरल्या. सुविद्य, विनम्र, अप्सरे सारकी धर्मपत्नी मेळ्ळ्या ताका. पूत ना जालो म्हूण कितें जालें? सुंदर आनी सुशील धूव ताच्या वांट्याक आयल्या. अशें आसतना ताका दुख्खी जावपाचें कसलेंच कारण नाशिल्लें.

तरी तो दुख्खी आशिल्लो. घरांतल्या समस्यांक लागून न्हय, तर समाजांतल्या वळवळट्या किड्यांक लागून.

ताच्या कुटुंबांतलीं मनशां कोणाचेच वाटेक वचपी न्हय. शेजराक, गांवांत कसलोय तंटो उप्रासलो जाल्यार गजेंद्रालें कुटूंब धा पावलां पयसच रावपी.

कोणाक वायट उतर तर ताच्या कुटुंबांतल्या मनशांनी केन्नाच दिलें ना.

अशें जरी आसलें तरी कुटुंबांतली मनशांती इबाडपा खातीर, कोण ना कोण मुजरत आंगार येवन पडटाच. तो गरजे भायर आंगार पडून अशे तरेन दुख्ख दिता, की आशिल्ली नाशिल्ली संपत खर्च केली तरी सोंसपी

त्या दुख्खापसून पयस रावंक शकना. हांगा दुडवां परस अहंकार आनी मान–रेस्पेद व्हड आसता.

हांगा आता नायक दांपत्य आपले एकसुरे धुवेक लागून अस्वस्थ आशिल्लें. शीला जो मेरेन आवय–बापायकडे आपलें मन उक्तें करिना तो मेरेन तांची अस्वस्थताय कशीच पयस जाय सारकी नाशिल्ली. गजेंद्रापरस दुर्गो चड अस्वस्थ आशिल्लें. पूण गजेंद्राक तें दाखोवन दिनाशिल्लें. कारण दादलो मनीस कितलोय शांत रावलो, तरी तो वेळ प्रसंगार आपलो गैरसमज करून घेवंक शकता. उचंबळ जावन कित्याकितेंय करून बसूंक शकता. असले वेळार ताका शांत दवरपाचें काम घरांतले समजीकायेचे बायलेक करचें पडटा, आनी दुर्गो तेंच करतालें.

दुर्ग्याची नदर शीलाचेर बारकायेन आशिल्लीच! शिवाय ताचें शिंतीद आपल्या घोवाचेरूय आशिल्लें. आपलो घोव भायल्यान शांत दिसता, पूण तो भितरल्यान अस्वस्थ आसता हाची जाणविकाय दुर्ग्याक आसतालीच. मळबांत पयस पयस उडटले घोणीचें शिंतीद जे प्रमाण आपल्या पिलांचेर आसता, तशें दुर्गो खंयीय आसलें तरी ताचें मन घोवा भोंवतणीं घिट्ट्यो मारता. इतलेंच न्हय, आपल्या घोवालें प्रत्येक उतर झेलून घेवपाक तें एका पांयार तयार आसता.

सकाळीं सकाळीं बोंग्यां रुपान आशिल्लीं दसणीं फुलां दीसभर टवटवीत आशिल्लीं. पूण सांज जातां जातां म्हळ्यार तीं बावपा धडेर पाविल्लीं. तांची शक्त एकसारकी क्षीण जायत वताली. जनेला आडसाक उबो आशिल्ल्या गजेंद्राची नदर त्या शक्तहीण फुलांचेर पडली आनी ताका एकदम कच्च जालें. ताका आपले धुवेची अकस्मात याद जाली खरी, पूण ताणें उलो मारलो तो दुर्ग्याक!

‘‘कितें जालें, अकस्मात कित्याक उलो मारलो?’’ रांदचे कुडींतल्यान धांवून येवन दुर्ग्यान गजेंद्राक प्रस्न केलो.

‘‘बाय खंय आसा?’’ गजेंद्रान आपली अस्वस्थताय उक्तायली.

‘‘आसतलें हांगाच खंयीं तरी. आतांच आशिल्लें. आपोवं?’’

दुर्गें मात्शें काचाबूल जालें.

“तुमचे भितर कितें उलोवणीं जाल्यात?”

“जांवयां बाबतींत म्हणटा मरे तूं?”

“जांवय जाता तेन्ना! बेठेंच शीताफुडें मीठ खावं नाका. पळोवन गेल्ल्या न्हवऱ्याविशीं उलयतां हांव.”

“अजून कांय उलोवना तें म्हजेकडे. उलोवनी ताका जाय तेन्ना. बेठोच उतावीळपणा कित्याक?”

“हाका उतावीळपणा न्हय, वेळकाडूपणा म्हणटात. न्हवरो पळोवन गेलो. आता तुका पसंत पडला काय ना, तें सांग मगो एकदांचें.”

“सांगतलें रे, तूं बेठोच चिंतेस्त जाता!”

“सांगतलें, केन्ना सांगतलें? आमी आमचो हयकार वगतार कळयलो ना आनी तीं दुसरेकडें गेलीं जाल्यार?” गजेंद्र.

“वचूं दी वतात जाल्यार. जायते मेळटले आमच्या बायक न्हवरे.” – दुर्गें.

“तें कळटा गो म्हाका. पूण हातचें सोडून पळत्याचे फाटीक कित्याक लागपाचें काय म्हणटां हांव! घराबो बरो आसा. आमच्या घराण्याक सोबसारको आसा. न्हवरोय सुशील आनी सुरूप आसा. आमच्या बायक सोबता तसो आसा. आमचीय कसलीच हरकत ना. मागीर फुडले गजालींक कळाव कित्याक काय म्हणटां हांव? तें कितेंय आसूं. तूं बायक आपोवन हाड. लावया एकदांचो सोक्षमोक्ष. ह्यो गजाली झरयत बसपाच्यो न्हय.”

गजेंद्रान आपल्या मनाची तळमळ दुर्ग्या मुखार मांडली. तो आपले धुवेच्या लग्ना बाबत पयलेच फावट इतलो गंभीर जाल्लो दिसलो.

शीला आपल्या आवय-बापायचो संवाद दारा भायर उबें रावन आयकतालें. ताणें चिंतलें, बापायन आपल्याक प्रस्न करचे पयलीं आपणें आपलें मन आपल्या आवय-बापाय मुखार उक्तें करचें. तांकां केन्ना मेरेन झुलयत दवरतलें? ताणें नेटान आवय म्हऱ्यांत वचून म्हळें –

“माँ, तुमी म्हजे सोयरीगतीचो सोक्षमोक्ष लावचेली गरज ना. हांवें तो लायलो.”

“म्हणटकच तुका न्हवरो मानवलो, अशें समजुपाचें मगो आमी?” दुर्ग्यान खोशेन प्रस्न केलो.

“ना ना माँ, म्हाका तो न्हवरो मानना. हांव ताचेकडे लग्न जावंक शकना.” शीलाचीं हीं उतरां आयकना फुडें गजेंद्र चाट पडलो. शीलान एका धपक्यान दिल्ले जापेची अपेक्षा गजेंद्राक नाशिल्ली. दुर्ग्याक मात शीलाचे वागणुकेवेल्यान दुबाव मारिल्लो.

“तुका तो मानना तें बरें आसा. पूण तुका ताच्यांत कसलो उणाव दिसलो तें कळ्ळयार बरें आशिल्लें, न्हय गो दुर्ग्या!”गजेंद्राच्या तोंडांतल्यान निर्शेल्लीं उतरां भायर पडलीं.

“म्हाका तो न्हवरो आवडना, इतलें सांगल्यार पुरो न्हय तुमकां. बेटींच दुसऱ्याचीं उणीदुणीं म्हज्या तोंडांतल्यान कित्याक वदोवन घेतात? तशें करप म्हाका आवडचें ना. आनी म्हजें मन त्या भुरग्याक म्हजो जीवन सांगाती मानपाक तयार ना.” शीलान ठामपणान सांगलें.

“आनी कोणाचेर मन बी बसलां काय कितें गो तुजें? तशें आसल्यार कितेंच लिपोवन दवरूं नाका बाये! आमी तुजे इत्से आड वचपा ना.” अशें उलोवन दुर्ग्यान गजेंद्राचेर नदर मारली.

“तशें कितेंय आसल्यार तुमच्या कानार घालिनासतना रावन अशें दिसता गे माँ तुका?”

अशें उलयतासतना शीलाचें मन अस्वस्थ आशिल्ल्याचें दुर्ग्याक कळून आयलें. असले स्थितींत शीला आवय-बापाय म्हऱ्यांत रावलें ना. आपल्या उलोवण्यान आपलो आवय-बापूय समाधानी ना, ही गजाल शीलाच्या लक्षांत आयली. थंयच्यान उठून तें आवय-बापायच्या दोळ्यां आड गेलें.

आनी कोणूय बापूय जाल्यार धुवेच्या वर्तनान पिकार जातलो आशिल्लो. तिका धपकायतलो आशिल्लो. बापायच्या अधिकारान चार

उतरांनी समजावपाचो येत्न करतलो आशिल्लो. म्हणटलो आशिल्लो, "तुका जल्म दिवन ल्हानाचें व्हड केलां तें मनमानी करूंक न्हय. अशें कित्या कितेंय करून आमच्या घराब्याचें नाक कापतलें तूं. पूण हांव तुका अशें करूंक दिवचो ना."

पूण तो कांयच उलयलो ना. उलोवनूय कांयच उपेग नाशिल्लो. आतां दुर्गे कितेंय उलयल्लें जाल्यार मात ताका तो तेंको दितलो आशिल्लो. शीला आतां आपल्या लग्नाचे बाबतींत, आपल्या आवय-बापायचेर निंबून नाशिल्लें. धीरू मदें येवंनाशिल्लो जाल्यार मात आवय-बापूय सांगता थंय लग्न जावपाचें. दुसरी गजाल अशी. की गजेंद्राक धीरु जावंय म्हूण पसंत आशिल्लो. चड करून तागेल्या घराब्याक लागून. पूण भितरली खबर ताका नाशिल्ली. शीलाय ती उस्तून काडून विशयाक फांटे फोडूंक सोदिनाशिल्लें. कारण तशें केल्लें जाल्यार ताणें आपले आवय-बापायचो सुखाचो जीव दुख्खांत उडयल्लेवरी जावपाचें आनी शीलाक तशें जाल्लें नाका आशिल्लें.

शीलान आता स्वताच्या लग्नाची जापसालदारकी स्वताचेर घेतिल्ली. ताका मुखेल कारण धीरु आशिल्लो हें जालेंच. ते भायर आनी जायत्यो देखी ताचे तकलेंत घुंवताल्यो. शीलाची मामा-मामी, सिस्टर प्रिस्का आनी ताचो आवय-बापूय ह्या सगळ्यांच्यो जिवीतकथा शीलाचेर प्रभाव घालून राविल्ल्यो. ह्यो कथा सर्वसामान्याच्यो आशिल्ल्यो. पूण भविश्यांत ताच्या वांट्याक जोडीदाराच्या रुपान कसलो मनीस येत कोणाच्यान सांगूं येता?

देखून ताणें आपले इश्टिणीक - सुमनाक - धाडून प्रथमेशाक आपोवन हाडलो. शीला-प्रथमेशाची भेट जावंचे आदीं सुमनान प्रथमेशाक भेटेचें कारण स्पश्ट आनी उक्तेपणान सांगलें. दाखय-लिपय करपाक कसलोच वाव दवरलो ना.

थरल्या प्रमाण, शीला आनी सुमन - दोगीय इश्टिणी, मडगांवच्या मुनिसिपल गार्डनांत एका बांकाचेर बसून प्रथमेशाची वाट पळेत रावल्यो.

प्रथमेश जेन्ना तांच्या म्हऱ्यांत आयलो, तेन्ना कांय खीण तांचेमदें कितेंच उलोवप जालें ना. तो उबो आनी तीं दोगांय निर्विकारपणान बसून ताचेकडेन पळेत रावलीं. मात शीलाच्या चेऱ्यावेले भाव मात्शे बदल्ले. शीला समर्पणाचे भावनेन प्रथमेशाक पळेत रावलें.

पूण प्रथमेशाक दोगां चलयां वांगडा गार्डनांत वेळ काडप मानवपा सारकें नाशिल्लें. गार्डनांत बसून शीलाचें म्हणणें आयकपूय ताणें पसंत केलें ना. ताणें बोल्सांत हात घालून दुडवांचो अदमास घेतलो आनी दोगांकूय घेवन तो लागसारच्या देशेंतशा हॉटेलांत गेलो. असल्या हॉटेलांत गेलो, जातूंत एकांतांत बसून उलोवपाची सोय आसा.

हॉटेलांत एक मेज आनी चार कदेलांचो आसपाव आशिल्ले इल्ले इल्लेशे कम्पार्टमेंट आशिल्ले. तातूंत बसून फुतफुतनासतना उलयल्यार सामकारा बशिल्ल्याक स्पश्ट आयकूंक येतालें.

प्रथमेशाक चलयां वांगडा हॉटेलांत बसून गणोवपाचें नाशिल्लें. ताणें शीलाक उलोवपाची विनवणी केली.

शीलान कसलीच भीडभाड धरी नासतना आपलें मन प्रथमेशा मुखार उक्तें केलें. आपलो सर्वनाश करपा खातीर आतेबायच्या सांगातान, धीरून कसलीं कसलीं कारस्थाना केलीं तीं प्रथमेशाक विस्कटावन सांगलीं. इतलेंच न्हय, धीरु आपल्याक बदनाम करपाची शक्यताय कशी उप्रासल्या, हीय गजाल शीलान प्रथमेशाक सांगली. शीलान आपलें दुख्ख प्रथमेशा मुखार अशे तरेन मांडलें जशे तरेन एकाद्री अस्तुरी आपल्या घोवा मुखार, भावा मुखार वा पुता मुखार मांडटा!

शीलान प्रथमेशाक उक्तेपणान हेंय सांगलें की, ताचो आवय-बापूय ह्या फुडें ताचे लग्नाचे भानगडींत पडचो ना.

ही गजाल ताणें इतले सोंपेपणान आनी गंभीरतायेन, तशीच खोशेन सांगली की एक मोगी दुसऱ्या मोग्याक सांगता.

प्रथमेशान शीलाची दुखरी काणी अशे तरेन आयकून घेतली की एकाद्रे गायेन वा बोकडेन, तण वा पालो बकबकीत गिळून तो रवंथी

खातीर सांठोवन दवरचो.

शीलाली पुराय काणी आयकून जातकच प्रथमेश उठून बील फारीक करूंक गेलो. ताच्या फाटल्यान सुमनय भायर गेलें. शीलाच्यान मात सडसडीत उठूंक जालेंना. तें मात्शें मोटें आशिल्ल्या कारणान ताचे कडल्यान सडसडीत हालचाल जायनाशिल्ली.

शीलाक रुमा भायर येवंक मात्सो कळाव जालो म्हूण सुमन ताका फुडें वचून रावलें. शीला रुमांतल्यान भायर सरलें मात, इतल्यान शेजारच्या रुमांतल्यान धीरु भायर आयलो. ताच्या वांगडा एक चली आशिल्लें. ताका लागून धीरुन शीलाक पळोवन पळोवनाशिल्लेवरी केलें. तें चली नाशिल्लें जाल्यार मात धीरु शीला वांगडा कसो वागत आशिल्लो, हें सांगप कठीण आशिल्लें.

आनी एक बऱ्याची गजाल घडली. प्रथमेश बील फारीक करून शीलाची वाट पळेत, मुखेल दाराक तेंकून उबो आशिल्लो. दारांत आनीकय कांय लोक उबे आशिल्ले. ताका लागून धीरुची नदर प्रथमेशाचेर पडली. तो प्रथमेशाक वळखलो. प्रथमेशाक पळोवन धीरुन थंयच्यान कूस मारली. कारण सज्जनांच्या राज्यांत दुर्जनाची ताकत कामाची नाशिल्ली. सज्जनांच्या राज्यांत उजवाड आसता आनी चोर उजवाडापसून सदांच पयस रावतात.

:४१:

प्रथमेशान एकदां धीरूक अद्दल घडयल्ली. एकट्याकच न्हय तर ताच्या साबार वांगड्यांचीं हाडां प्रथमेशान सदळ केल्लीं. तो प्रसंग प्रथमेश विसरून गेल्लो, पूण धीरूक मात घट्ट याद आशिल्ली. तरी ताका दिशिल्लें ती घडणूक प्रासंगीक म्हणून! प्रथमेश ती विसरूनय गेलो आसतलो. घडटात असल्यो मारामारीच्यो घडणुको आमच्या मदें. पूण त्यो विसरून वचपाच्यो आसतात. शीला तो प्रसंग विसरचें ना. पूण प्रथमेश विसरून गेलो आसतलो, अशें धीरुक दिसतालें.

पूण आयज शीलाक प्रथमेशा वांगडा हॉटेलांत पळोवन धीरु हाल्लो. ताका प्रथमेशाचो पराक्रम खबर आशिल्लो. शीला सांगाताक एक प्रथमेश आसप आनी आपल्या तेंक्याक डजनांनी गूंड आसले तरी जैत हें प्रथमेशाचेंच आसतलें, हाची पुराय खात्री धीरुक आशिल्ली.

धीरुल्या चंचळ मनांत विचार आयले, शीलाचो नाद सोडून दिवंचो. पूण जित्याची खोड मेले बगर सुट्टली? रोकडेच ताच्या मनांत दुसरे विचार आयले. शीलाचो नाद एक वेळ सोडूंक जाता. ना, तो सोडचोच पडटलो. एक वेळ शीला जल्मभर आंकवार रावत, पूण नाका त्या न्हवऱ्याकडे तें लग्न कशेंच जावंचें ना.

हें सगळें खरें, पूण ताचो सूड घेवपाची इत्सा पुराय कशी जातली? सूड तर घेवंकच जाय. तो घेतले बगर जल्मभर कशीच चैन पडची ना. सूड तो मागीर प्रत्यक्ष जावं अप्रत्यक्ष.

राक्षसी वृत्तीच्या मनशाचे तकलेंत दुश्ट विचार शिरपाक कळाव लागना. धीरुले तकलेंतले बरे विचार कुशीक सरले आनी तांची सुवात दुश्ट विचारांनी घेतली.

ताणें लांबलचक कागद-पेन हातांत घेतलें आनी आपल्या बापायच्या तोडीच्या सगळ्या गिरेस्तांच्या नाम्यासयत नामावळ बरोवन काडली आनी सगळ्यांक पोष्टांतल्यान पत्रां धाडून दिलीं.

ह्या निनांवी पत्रांतल्यान धीरून कसलो संदेश दिलो? ह्या शारांतलो, गिरेस्तांतलो गिरेस्त मनीस गजेंद्र नायकालें चली-शीला एका मेस्ताल्या पोरा वांगडा हांगा-थंय हॉटेलांनी भोवन मजा करता. कालच हांवें दोगांकय एका हॉटेलांत पळेल्यांत.

तेन्ना, तुमकां जर तुमच्या घराण्याची लज आनी नावलोकीक तिगोवन दवरपाचो आसत, तर गजेंद्र नायकाल्या घराब्याकडे कोणें कसलोच संबंद दवरचो न्हय.

एक प्रत धीरून गजेंद्र नायकाच्या नांवान, पोस्टान धाडली. ह्या पत्राची दखल कोणेंच घेतली ना. पत्राचेर कोणेंय सय केल्ली जाल्यार

लेगीत कोणय तें पत्र वाचून, पिंजून भायर मारतलो आशिल्लो. कारण शीला हें सुसंस्कृत घराण्यांतलें, बरे देखीचें भुरगें म्हूण सगळ्यांक खबर आशिल्ली.

अशें जरी आसलें, तरी शीलान ह्या पत्राचो बरोच धसको घेतलो. हें पत्र आपल्या आवय-बापायक दुख्खदिणें आसा. आपल्याक लागून तांकां दुख्ख भोगचें पडटा हाचें शीलाक चड पिकासांव जालें. गरगरीत फुलून आयिल्लें शीला आठ दिसां भितर बावून आयलें. ताचे पोले पडले. पांयांच्यो दोकल्यो जाल्यो. कांय दिसां पयलीं गोरेंपिट्ट आशिल्लें शीला काळशेलें. हाताच्यो कांबी जाल्यो. नाक किराचे चोंची भशेन दिसूंक लागलें. ओंठांचो तांबडो रंग उडून गेलो. वजन देंविल्ल्यान लठ्ठ आशिल्लें शीला सुकडेलें. चिंतेन ताचें रक्त चोखून ताका अशक्तताय हाडली.

शीलाचें आता घराभायर येवप-वचप चडशें बंद जालें. तरी तें आवय-बापायच्या मुखार हांसून-खेळून वागतालें. ही ताची अडेची खुशालकाय नायक जोडप्याकच न्हय, तर घरांतल्या नोकर-चाकरांक आनी शेजार- सामाऱ्यांक खटकताली. तरी शीलाचे उदासीचें कारण विचारपाचें धाडस कोणाक जायनासलें.

ताचो आवय-बापूय आता ताच्या मुखार, ताच्या मनाक लागता तसलो कसलोच विशय काडूंक धजनासलो.

कोणाकय दिसतलें, आपले धुवेची अशी दशा जायसर, नायक जोडपें हात कामरून ओगी कशें रावलें?

हे जाले सर्वसामान्याचे विचार. कथा-कादंबऱ्यांनी आनी टिव्हीर सदांकाळ आमका हेंच पळोवंक मेळटा. नायक जोडपेंय धाक दाखोवन, धमकावन आपले धुवेक, आपल्याक जाय ताचेकडे लग्न लावन दिवंक शकतालें. पूण तांणीं तशें केलें ना. तीं शाणीं आशिल्लीं. जबरदस्तीन केल्ले कसलेय कृतीचे दुश्परिणाम तांणीं अणभविल्ले.

दुसरी गजाल, शीला सुशिक्षीत आनी सुसंस्कारीत आशिल्लें. बरे-वायटाची ताका पुराय जाणविकाय आशिल्ली. ताकाच लागून नायक

जोडपें आपले धुवेचेर विस्वास दवरून चिंताविरयत आशिल्लें.

एक दीस सुमन कोमुनिदाद बिल्डिंगेंत गेल्लें. थंय ताका प्रथमेश भेटलो. सुमना वांगडा शीला ना तें पळोवन प्रथमेशाक अजाप दिसलें. तो आपूण जावन सुमना म्हऱ्यांत आयलो आनी ताणें शीलाची चवकशी केली-



‘‘सुमन, तूं आयज एकटेंच शें मगो, इश्टीन खंय जाप दिनासतना मान सकल घाली.

‘‘कितें गो, उलयना-शें. बरें आसा मगो तें?’’

‘‘तें म्हूण कोण?’’सुमनान कोरें केलें.

‘‘तुजे इश्टीणीविशीं उलयतां न्हय गो हांव! अशें रागान कितें पळेता; सारकें उलय म्हजेकडे.’’ प्रथमेशान कडक उतरांनीं सांगलें.

‘‘सारकें कित्याक उलोवं? म्हाका राग आयला तुजो.’’

‘‘राग-सो गो बाय! राग येवंक हांवें कितें केलां तुजें?’’

‘‘म्हजें कांय करुना तुवें प्रथमेश. म्हजे इश्टीणीचें केलां. हांवें तुका कितले फावट सुचयलें, की तें तुजो मोग करता. तूं ताचे लागीं येवपाचें सोडून पयस-पयस वता? इतलो व्हडलो समजता रे तूं स्वताक?’’

‘‘ना गो. हांव स्वताक व्हडलो बिडलो कांय समजना. हांव म्हजी पायरी वळखून आसां.’’

‘‘त्यो तुज्यो फिलोजोफ्यो म्हजेकडे नाकात. तुका आतांच म्हजे वांगडा येवचो पडटलो.’’

‘‘खंय?’’

‘‘शीलागेर!’’

‘‘कित्याक?’’

‘‘तें तुका हुस्केता. ताणें आपलें दुख्ख तुजे मुखार मांडलें. तरी तूं ताचे पसून पयस रावलो. प्रथमेश, शीलाक तुज्या आदाराची गरज आसा रे. तुज्या आदारा शिवाय तें जगूंकच शकना. त्या पत्राचो ताणें धसको घेतला.’’

"त्या पत्राचो? हें आनी पत्र खंयचें?" प्रथमेश अजापलो.

सुमनान पर्सींतलें पत्र काडून प्रथमेशाक दाखयलें. हें सय नाशिल्लें पत्र वाचून धीरूक खंय आसा थंयच्यान सोदून काडून उबोच चिरचो अशें प्रथमेशाक दिसलें. पूण ताणें रागाक आवर घालो.

"सुमन, म्हाका आत्तांच्या आतां घेवन शीलागेर वच. हें पत्र ताच्या आवय-बापायच्या हातांत पडल्यार तांचेर वज्राघात जाल्लेवरी जातलो. आतांच वचून तांचो गैरसमज पयस केल्यार बरो. ना, तो तर म्हाकाच करचो पडटलो." अशें म्हणून दोगांय शीलाल्या घरा दिकेन चलूंक लागलीं.

सांजेचीं स जाल्लीं जावंये! नायकाल्या बंगल्यार सगळेकडे शांततायेचें राज्य चलतालें. निळ्या मळबांत एक-दोन घोणी पासयो मारताल्यो. रुखावेल्या सुकण्यांचो चिंवचिंवाट चालूच आशिल्लो. कावळे हांगा-थंय उडटाले, पूण तांची कांवकांव जाणवनाशिल्ली. ह्या सगळ्याची शांततायेक कसलीच बादा येनाशिल्ली.

इतल्यान कर्र करून दरवंट्याचो आवाज जालो आनी शांतताय भंगली. ह्या आवाजान सगळ्यांत आदीं जागरूक शीलाचे कुडीचें जनेल उक्तें जालें. सगळ्यांत आदीं ताची नदर दरवंट्याकडे गेली. पळे जाल्यार फुडें सुमन आनी फाटल्यान प्रथमेश उबो आसा. प्रथमेशान सगळ्या बंगल्यार नदर भोंवडायली. तेन्ना ताका शीला दिसलें. प्रथमेशाक आपल्या बंगल्या दारांत पळोवन शीलाक जाल्ली खोस अवर्णनीय आसली. शीलान दोगांकय हात हालोवन आपले कुडींत आपोवन घेतलीं.

सुमन ह्या दिसांनी बंगल्यार येवनाशिल्लें. तरी ताचें येवप-वचप सदचें जाल्ल्यांत जमा आशिल्लें. प्रथमेशाचे बाबतींत मात शीलाक खूब अजाप दिसलें. ह्या म्हापुरुशाचो पांय ह्या बंगल्याक लागलोच कसो, हेंच तें अजाप आशिल्लें.

शीलान प्रथमेशाक म्हापुरूश म्हळो तें आयकून कोणाकय कशेंशेंच दिसतलें. इतलो ल्हान आसुनय म्हान? हय, शीलाचे दिश्टीन तो म्हानच

आशिल्लो. ताणें ताका भायर-भितर पारखिल्लो. म्हापुरूशांत आसूंक फाव ते सगळे गूण प्रथमेशांत आशिल्ले.

शीलान प्रथमेशाक हुनहुनीत येवकार दिलो. एका उच्च कुलीन आनी श्रीमंताल्या भुरग्याकडें वागता, तशेंच शीला प्रथमेशाकडे वागतालें.

प्रथमेशाचें मन मात शीलाक पळोवन प्रसन्न दिसलें ना. कारण प्रथमेशाक दिसलें की आपल्याक लागून शीलाची अशी गत जाल्या. ताका कारणीभूत आपुणूच आसां, अशें प्रथमेशाक दिसलें.

एक मात गजाल खरी, हे आदीं प्रथमेश शीलाकडे जितलो आकर्शीत जावनाशिल्लो, ते परस कितलेशेच पटींनी आयज जाल्लो. जगाचे दिश्टीन शीला सौंदर्यहीण जाल्लें; पूण प्रथमेशाचे दिश्टीन मात शीलाचें सौंदर्य इल्लेंय उणें जावनाशिल्लें. शीलाच्या रुपान एक सगळ्यांत चड रुपेस्त अस्तुरी प्रथमेशाच्या मुखार वावुरताली.

"प्रथमेश, हांव तुका म्हज्या आवय-बापायक भेटोवंक सोदतां, आवडटलें तुका?"

"देवळांत येवन देवाचो प्रसाद घेनासतना कसो वतलों हांव?" प्रथमेशाचीं उतरां आयकून शीलाक खूब बरें दिसलें. प्रथमेशाक बसोवन तें आवय-बापाय म्हऱ्यांत गेलें. ते वेळार गजेंद्र आयिल्लो आसलो. आपले कुडींत बसून वर्तमानपत्रां चाळटालो. भायर कोणतरी तांकां मेळूंक आयला म्हूण शीलान तांकां भायर आपोवन हाडलीं.

गजेंद्र-दुर्गे जोडप्यान भायर आयलीं तेन्ना खरें म्हळ्यार प्रथमेशान उबो रावंक जाय आशिल्लो. पूण तो तसोच बसून रावलो. श्रीमंत जोडप्याची प्रतिक्रिया समजून घेवपाचो प्रयत्न आशिल्लो तो घडये.

"माँ, हो प्रथमेश! आमचो इश्ट. आमचो म्हळ्यार दोगांयचोय, सुमनाचो आनी म्हजोय बी. मनमिळाऊ, मनमेकळो..." शीला आनीकय फुडें खूब कितें सांगूंक सोदतालें. पूण प्रथमेशान हात हालोवन ताका फुडें उलोवपाक मनाय केली. शीलान आपल्या उलोवपांत खंड घालो, तेन्ना प्रथमेश नायक जोडप्या मुखार ओणवो जालो आनी तांच्या पांयां पडलो.

आपलो आदरभाव ताणें अशे तरेन उक्तायलो की खंयच्याच कुलीन घराण्यांतल्या भुरग्यापरस आपूण शालीनतायेंत उणो पडचो न्हय.

नायक जोडप्यान प्रथमेशाक आशिर्वाद दिलो. तोय वयलेतराचो न्हय. आनी कोणूय चलयेचो बापूय आशिल्लो जाल्यार? आशिर्वाद दितना कपलाक मिरयो घालतलो आशिल्लो. फक्त कुलीन घराब्याकडे संबंद दवरपाची सपनां रंगोवपी वजनदार लोक, प्रथमेशा सारक्या सटरफटराची सावळी लेगीत आपल्या धुवांचेर कशी पडूं दीत?

पूण हांगा तशें कांयच दिसनासलें. सगळें वातावरण पवित्र आनी निर्मळ! जात-धर्म, गरीब-श्रीमंत आनी काळ्या-गोऱ्यांतलो भेदभाव खंयचे खंय नाच्च जाल्लो.

म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार, प्रथमेशाचेर कुलीनतायेचो शिक्को कोणें मारूंक नाशिल्लो. तरी नायक जोडप्याक कुलीन धीरु परस प्रथमेश उजू दिसलो.

''कसो लागलो आमचो बंगलो?'' प्रथमेशाचो बेठोच थाव घेवपाक दुर्ग्यान प्रस्न केलो.

''हाचे परस खूब सुंदर बंगले ह्या शारांत आसात. पूण तातूंत रावपी मनशांक कोण वळखतात? म्हाका ह्या बंगल्यांतलीं मनशां आवडलीं.'' प्रथमेशान नमळतायेन जाप दिली.

''येत राव असोच.'' गजेंद्रान मोगान म्हळें.

''शीला म्हजी इश्टीण. ताच्या बऱ्या-वायटाक पावप, हें म्हजें कर्तव्य. ताची इत्सा आसल्यार, आनी तुमची हरकत नासल्यार खंयच्याय वेळार हांव तुमचे सेवेक तयार आसतलों.''

प्रथमेशाचीं हीं उतरां आयकून शीला खिणांत सुखावलें. ताच्या मनांत घर करून आशिल्ले सगळे धीरू खिणांत खंयचे खंय उडून गेले. सैमाचेर काळखाचें पांगरूण चडटालें तरी शीलाचें मन आशेच्या किरणांनी फांकिल्लें.





नं. ध. बोरकार

हांचें उजवाडाक आयिल्लें

हेर साहित्य



नवलिकां

पोको

समर्पण

गोंदू



नाटकां

मम्मी

वावराडी

नं. ध. बोरकार म्हणल्यार कोंकणी साहित्याच्या मळार, विशेश करून कादंबरीच्या मळार आपलें खाशेलेपण निर्माण केल्लें व्यक्तीमत्व!
कोंकणी साहित्यांत तांणी जरी उसरां पावल घाल्लें आसलें तरी तांच्या पावलांच्यो कुरवो ह्यो साहित्य जाणकारांक आडनदर जायनात.

तांची पयली कादंबरी 'पोको' वाचून कोंकणींतले लोककवी डॉ. मनोहरराय सरदेसाय म्हणटात -
'साहित्यीक बरयता हें आपल्या दुकांनी वा रगतान बरयना. तो आपल्या उतरांनी बरयता. ताचीं चिंतनां कितलीं खोल, सपनां कितलीं ऊंच, दुकां कितलींय हून आसलीं तरी जो मेरेन ताच्या उतरांनी जीव ना, तांक ना, तो मेरेन तो एक समर्थ साहित्यकार जावंकच पावना. नंदा बोरकारांत ती तांक आसा.'

तांची 'समर्पण' ही कादंबरी वाचून ज्ञानपीठकार, पद्मभूषण रवीन्द्र केळेकार म्हणटात -
'तुगेली 'समर्पण' नवलकथा वाचून सोंपयली. पयल्याच पाना वयल्या 'दोंगरा वयल्यान हात हालयत देंवन आयिल्ल्या' देमूच्या वर्णनान मन कथेक दशिल्लें तें तीन दीस मेरेन नवलकथा वाचून सोंपयसर - तशें दशिल्लें उरिल्लें - नवलकथेचो अंत सुपर्ब जाला, भव्य जाला, तो वाचून म्हज्या दोळयांतल्यान भळळ करून दुकां गळळयांत.'

'गोंदू' ही कादंबरी वाचून नामनेचे कथाकार दामोदर मावजो म्हणटात -
'हे कादंबरींतलीं सगलीं पात्रां जितींजिवीं कशीं दिसतात. एक आस्वादक ह्या नात्यान म्हाका ही कादंबरी खूब आवडली. चाकोरी भायली **"unconventional"** म्हणूं येता अशी!'

त्याच कादंबरीकाराची ही नवी नवलिका 'बावकें'.

बिम्ब
प्रकाशन